| [391. | अधिराज्यांची विधीमंडळांनी आनी प्रांतांच्या आनी भारतीय राज्यांच्या विधीमंडळांनी तुंबून उरिल्ल्या विशींचो उपबंध.—*काडलें.*] | 251 |
| 392. | अडचणी निवारण करपाचो राष्ट्रपतीचो अधिकार. | 251 |


## भाग XXII

## संक्षिप्त नांव, आरंभ हिंदी भाशेंत अधिकृत मजकूर आनी निरसनां


| | | |
|---|---|---|
| 393. | संक्षिप्त नांव. | 252 |
| 394. | आरंभ. | 252 |
| 394क. | हिंदी भाशेंतलो अधिकारक मजकूर. | 252 |
| 395. | निरसण्यो. | 252 |


## अनुसुचयो


**पयली अनुसुची**

I. राज्यां. 253

II. केंद्रशासीत प्रदेश. 260

**दुसरी अनुसुची**

भाग क—राष्ट्रपती आनी राज्यांच्या राज्यपालां संबंदी उपबंध. 263

भाग ख—[काडलें.] 263

भाग ग—लोकसभेचे अध्यक्ष आनी उपाध्यक्ष तशेंच राज्यसभेचो सभापती आनी उप-सभापती आनी राज्याचे विधानसभेचे अध्यक्ष तशेंच उपाध्यक्ष आनी विधान परिशदेचे सभापती तशेंच उप-सभापती हांचे संबंदीत उपबंध. 264

भाग घ—सर्वोच्च न्यायालयाच्या आनी उच्च न्यायालयांच्या न्यायाधिशा संबंदी उपबंध. 265

भाग ङ—भारताचो नियंत्रक आनी महालेखा परिक्षक हाचे संबंदीं उपबंध. 268

**तिसरी अनुसुची**—सोपूत आनी द्दढकथनां हांचे नमुने. 269

अनुच्छेद पान

**चवथी अनुसुची**—राज्यसभेंतल्या सुवातांची वांटणी. 273

**पांचवी अनुसुची**—

अनुसुचीत वाठार आनी अनुसुचीत जमाती हांचें प्रशासन आनी नियंत्रण हांचे संबंदीं उपबंध 276

भाग क—सर्वसादारण. 276

भाग ख—अनुसुचीत वाठार आनी अनुसुचीत जमाती हांचें प्रशासन आनी नियंत्रण. 276

भाग ग—अनुसुचीत वाठार. 278

भाग घ—अनुसुचींत बदल. 279

**सवी अनुसुची**—

आसाम, मेघालय, त्रिपुरा आनी मिझोराम ह्या राज्यांनी आदिवासी वाठारांच्या प्रशासना विशीं उपबंध. 280

**सातवी अनुसुची**—

वळेरी I—संघराज्य वळेरी. 310

वळेरी II—राज्य वळेरी. 317

वळेरी III—समवती वळेरी. 321

**आठवी अनुसुची**—भासो. 325

**णववी अनुसुची**—आडवादाचे अधिनेम आनी विनेम हांचें विधीग्राह्यीकरण. 327

**धावी अनुसुची**—पक्षांतराच्या आदाराचेर अपात्रताये संबंदीं उपबंध. 345

**इकरावी अनुसुची**—पंचायतींचे अधिकार, प्राधिकार आनी जापसालदारक्यो. 349

**बारावी अनुसुची**—नगरपालिकांचे अधिकार, प्राधिकार आनी जापसालदारक्यो, आदी. 350


## परिशिश्ट


**परिशिश्ट I**—संविधान (शंबरावो बदल) अधिनेम, 2015. 351

**परिशिश्ट II**—संविधान (जम्मू आनी काश्मीराक लागू) आदेश, 2019. 370

**परिशिश्ट III**—संविधानाच्या अनुच्छेद 370(3) खाला घोशणा. 371

# भारताचें संविधान

## उद्देशिका

**आमी, भारताचे लोक,** भारताचें एक [1][**सार्वभौम समाजवादी धर्मनिरपेक्ष लोकशाय गणराज्य**] घडोवपाचो आनी ताच्या सगल्या नागरिकांक:

**न्याय** - समाजीक, अर्थीक आनी राजनितीक;

**स्वातंत्र्य** - विचार, अभिव्यक्ती, विस्वास, श्रद्धा आनी उपासना हांचें;

**समानताय** - दर्ज्याची आनी संदीची;

निश्चीतपणान प्राप्त करून दिवपाचो आनी व्यक्तीची प्रतिश्ठा आनी [2][राष्ट्राची एकताय आनी एकात्मताय] सुनिश्चीत करून,

सगळ्यां मदीं **भावकी** वाडीक लावंक;

**आमचे हे संविधानसभेंत** आयज तारीख 26 नोव्हेंबर, 1949 दिसा **हे वरवीं हें संविधान अंगीकृत आनी अधिनेमीत करून स्वताप्रत अर्पण करतात**.

---

[1] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 2 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "प्रभुत्व-संपन्न लोकतंत्रात्मक गणराज्य" हे सुवातेर घालें.

[2] कित्तो- कलम 2 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "राष्ट्राची एकताय" हे सुवातेर घालें.

## भाग I

# संघराज्य आनी ताचें राज्यक्षेत्र

**1. संघराज्याचें नांव आनी राज्यक्षेत्र.**—(1) इण्डिया, म्हणल्यार भारत, हो राज्यांचो संघ आसतलो.

[1][(2) राज्यां आनी तांचीं राज्यक्षेत्रां पयले अनुसुचींत विनिर्दिश्ट केलां ते प्रमाणें आसतलीं.]

(3) भारताचें राज्यक्षेत्र हें—

(क) राज्यांचीं राज्यक्षेत्रां;

[2][(ख) पयले अनुसुचींत विनिर्दिश्ट केल्लीं संघराज्याचीं राज्यक्षेत्रां; आनी]

(ग) संपादीत करूं येतात अशीं हेर राज्यक्षेत्रां, मेळून जाल्लें आसतलें.

**2. नवीं राज्यां आसपावीत करप वा स्थापना करप.**—संसदेक आपणाक योग्य दिसत अशा अटींचेर कायद्या वरवीं नवीं राज्यां संघराज्यांत आसपावीत करूंक मेळटलीं वा स्थापन करूंक मेळटलीं.

[3][**2क.** [*सिक्कीम राज्य ह्या संघराज्या कडेन सहयोगी करप.*].—*संविधान* (*छत्तिसावो बदल*) अधिनेम, 1975, *कलम* 5 *वरवीं* (26-4-1975 हे तारखे सावन लागू) *वरवीं काडलें.*]

**3. नव्या राज्यांची निर्मणी आनी सध्याच्या राज्यांचीं क्षेत्रां, शिमो वा नांवां हातूंत फेरबदल.**—संसदेच्यान कायद्या वरवीं—

(क) खंयच्याय राज्यां पसून खंयचेंय राज्यक्षेत्र वेगळें करून वा चड राज्यां वा राज्यांचे भाग एकठांय जोडून वा खंयचेंय राज्यक्षेत्र खंयच्याय राज्याच्या खंयच्याय भागा कडेन जोडून नव्या राज्यांची निर्मणी करूं येता;

(ख) खंयच्याय राज्याचो वाठार वाडोवं येता;

(ग) खंयच्याय राज्याचो वाठार उणो करूं येता;

(घ) खंयच्याय राज्याच्या शिमांनी फेरबदल करूं येता;

(ङ) खंयच्याय राज्याच्या नांवांत फेरबदल करूं येता:

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 2 (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू ) वरवीं मूळ पोटकलम (2) हे सुवातेर घालें.

[2] कित्तो- कलम 2 (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं उप-पोटकलम (ख) हे सुवातेर घालें.

[3] संविधान (पस्तिसावो बदल) अधिनेम, 1974, कलम 2 (1-3-1975 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[1][ताका शर्त अशी कीं, ह्या प्रयोजना खातीर मांडपाच्या खंयच्याय विधेयकाक राष्ट्रपतीची शिफारस आसले बगर आनी त्या विधेयकांत आसपाविल्ल्या प्रस्तावाक लागून जर [2]*** राज्यां भितरल्या खंयच्याय राज्याचो वाठार, शिमो वा नांव हाचेर परिणाम जाता आसत जाल्यार राष्ट्रपतीन तें विधेयक त्या राज्याच्या विधीमंडळा कडेन ताचे, ताचे वयले विचार विर्निर्दिश्ट केल्या अशा काळा भितर वा राष्ट्रपतीन वाडोवन दिल्या अशा आनीक काळा भितर आनी असो निर्देशीत वा विनिर्दिश्ट काळ सोंपल्यार तें विधेयक संसदेच्या खंयच्याच सभाघरांत मांडूंक मेळचें नात.]

[3][ *फोडणिशी I.*—ह्या अनुच्छेदांत, पोटकलम (क) ते (ङ) हातूंत "राज्य" ह्या उतरांत केंद्रशासीत प्रदेशाचो आसपाव आसा, पूण परंतुकांतल्या "राज्य" ह्या उतरांत केंद्रशासीत प्रदेशाचो आसपाव ना.

*फोडणिशी II.*—पोटकलम (क) वरवीं संसदेक प्रदान केल्ल्या अधिकारां मदीं, खंयच्याय राज्याचो वा केंद्रशासीत प्रदेशाचो भाग, हेर खंयच्याय राज्याक वा केंद्रशासीत प्रदेशाक जोडून, नवें राज्य वा नवो केंद्रशासीत प्रदेश घडोवपाच्या अधिकाराचो आसपाव आसा.]

**4. अनुच्छेद 2 आनी 3 खाला केल्ल्या कायद्यां वरवीं पयले आनी चवथे अनुसुचींच्या बदला खातीर तशेंच पुरक, अनुशंगीक आनी परिणामी बाबीं खातीर उपबंध करप.**—(1) अनुच्छेद 2 वा अनुच्छेद 3 हातूंत निर्दिश्ट केल्ल्या खंयच्याय कायद्यांत, त्या कायद्याचे उपबंधाचे परिणामक करपा खातीर गरजेच्यो आसत अशे, पयली अनुसुची आनी चवथी अनुसुची हांच्या बदलाचे उपबंध आसपावीत आसतले आनी संसदेक गरजेचें दिसत अशेय पुरक, अनुशंगीक आनी परिणामी उपबंध (संसदेंतले आनी अशा कायद्याचो परिणाम जावपी राज्याचे विधीमंडळ वा राज्यांचीं विधीमंडळां हातूंतल्या प्रतिनिधित्वा संबंदींचे उपबंध धरून) आसपावीत आसूं येतात.

(2) पुर्वोक्त असो कसलोय कायदो अनुच्छेद 368च्या प्रयोजना खातीर त्या संविधानाचो बदल आसा अशें मानचे नात.

---

[1] संविधान (पांचवो बदल) अधिनेम, 1955, कलम 2 (24-12-1955 हे तारखे सावन लागू) वरवीं परंतुकाचे सुवातेर घालें.

[2] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पयले अनुसुचीच्या भाग (क) आनी (ख) हातूंत विनिर्दिश्ट" काडलें.

[3] संविधान (अठरावो बदल) अधिनेम, 1966, कलम 2 (27-8-1966 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

# भाग II
# नागरिकत्व

**5. संविधानाचें सुरवातीचें नागरिकत्व.**—ह्या संविधानाच्या आरंभाक, भारताच्या राज्यक्षेत्रांत जे व्यक्तीचो राबितो आसा आनी—

(क) जी भारताच्या राज्यक्षेत्रांत जल्मल्ली; वा

(ख) जिच्या आवयबापाय मदलो कोणूय एक भारताच्या राज्यक्षेत्रांत जल्मल्लो; वा

(ग) जी अशा आरंभाचे मातशी पयलीं उण्यांत उणीं पांच वर्सां इतलो काळ भारताच्या राज्यक्षेत्रांत सामान्यतायेन राबितो करून आसा,

अशी दर एक व्यक्ती भारताची नागरीक आसतली.

**6. पाकिस्तानांतल्यान स्थलांतर करून भारतांत आयिल्ल्या थोड्या व्यक्तींच्या नागरिकत्वाचे अधिकार.**—अनुच्छेद 5त कितेंय आसलें तरी, जी व्यक्ती आतां पाकिस्तानांत आसपाव जाल्ल्या राज्यक्षेत्रांतल्यान स्थलांतर करून भारताच्या राज्यक्षेत्रांत आयल्या, तिका ह्या संविधानाच्या आरंभाक भारताची नागरीक अशें मानतले, जर—

(क) तिचो जावं तिच्या आवयबापाय मदल्या वा तिच्या आजो-आजी हांचे मदल्या कोणाय एकाचो गव्हर्नमॅण्ट ऑफ इण्डिया ऍक्ट, 1935 (मुळांत अधिनेमीत केल्ले प्रमाणें) हातूंत व्याख्या केल्ल्या अशा भारतांत जल्म जाल्लो आसत; आनी

(ख)(i) अशे व्यक्तीन 19 जुलय, 1948 ह्या दिसा आदीं हे प्रमाणें स्थलांतर केल्लें आसत जाल्यार आपणाल्या स्थलांतराचे तारखे सावन ती भारताच्या राज्यक्षेत्रांत सामान्यतायेन रावपी आसत जाल्यार; वा

(ii) अशे व्यक्तीन 19 जुलय, 1948 ह्या दिसा वा ताच्या उपरांत हे तरेन स्थलांतर केल्लें आसल्यार भारतीय अधिराज्याच्या सरकारान नोंदणे संबंदांत नेमिल्ल्या अधिकाऱ्या कडेन, त्या सरकारान थारायिल्ल्या नमुन्यांत आनी थारयिल्ले रितीन ह्या संविधानाच्या आरंभ काळा पयलीं त्या खातीर तिणें केल्ल्या अर्जा वयल्यान अशा अधिकाऱ्यान तिची भारताचो नागरीक म्हूण नोंदणी केल्ली आसा.

ताका शर्त अशी कीं, कोणूय व्यक्ती आपणाल्या अर्जाचे तारखेचे निकटपूर्व उणेच ते स म्हयने तरी भारताच्या राज्यक्षेत्रांत राविल्ली आसल्या बगर तिची हे प्रमाणें नोंदणी करूंक मेळची ना.

**7. स्थलांतर करून पाकिस्तानांत गेल्ल्या विशिश्ट व्यक्तींच्या नागरिकत्वाचे अधिकार.**—अनुच्छेद 5 आनी 6 हातूंत कितेंय आसलें तरी, जी व्यक्ती 1 मार्च, 1947 ह्या दिसा उपरांत भारताच्या राज्यक्षेत्रांतल्यान स्थलांतर करून सध्या पाकिस्तानांत आसपाविल्ल्या राज्यक्षेत्रांत गेल्ली आसा, ती व्यक्ती भारताची नागरीक आसा अशें मानचे नात:

ताका शर्त अशी कीं, जी व्यक्ती आतां पाकिस्तानांत आसपाविल्ल्या राज्यक्षेत्रांत हे प्रमाणें स्थलांतर केल्या उपरांत, खंयच्याय कायद्याच्या प्राधिकारा वरवीं वा ताचे खाला दिल्ल्या, परतून स्थायीक जावपाच्या वा कायम परतेच्या परवान्या खाला भारताच्या राज्यक्षेत्रांत परतल्ली आसा तिका ह्या अनुच्छेदांतली खंयचीय बाब लागू जावची ना आनी अनुच्छेद 6च्या पोटकलम (ख)च्या प्रयोजना खातीर, अशी दर एक व्यक्ती, 19 जुलय, 1948 ह्या दिसा उपरांत स्थलांतर करून भारताच्या राज्यक्षेत्रांत आयिल्ली व्यक्ती आसा, अशें मानतले.

**8. मूळ भारतीय, पूण भारता भायर रावपी विशिश्ट व्यक्तींच्या नागरिकत्वाचे अधिकार.—** अनुच्छेद 5त कितेंय आसलें तरी, जी व्यक्ती वा जिच्या आवयबापाय मदलो वा जिच्या आजो-आजी हांचे मदलो कोणूय एक गव्हर्नमॅण्ट ऑफ इण्डिया ऍक्ट, 1935 (मुळांत अधिनेमीत केल्ले प्रमाणें) हातूंत व्याख्या केल्या अशा भारतांत जल्मल्ली आनी जी ते प्रमाणें व्याख्या केल्या अशा भारताच्या भायल्या खंयच्याय देशांत सामान्यतायेन राबितो करून आसा अशी कोणूय व्यक्ती, त्या-त्या काळार ज्या देशांत रावता आसत त्या देशांतल्या भारताच्या वाणिज्य विशयक प्रतिनिधीन तिची भारताचो नागरीक म्हूण नोंद केल्ली आसत जाल्यार, ती भारताची नागरीक आसा अशें मानून घेतले.

**9. परकी देशाचें नागरिकत्व आपखोशेन मेळोवपी व्यक्ती नागरीक नासप**.—खंयचेय व्यक्तीन खंयच्याय परकी देशाचें नागरिकत्व आपखोशेन मेळयलां आसत जाल्यार, ती व्यक्ती अनुच्छेद 5च्या आदारान भारताचो नागरीक आसची ना, वा अनुच्छेद 6च्या वा अनुच्छेद 8च्या आदारान भारताचो नागरीक आसा अशें मानचे नात.

**10. नागरिकत्वाचे अधिकार चालू उरप.**—ह्या भागांतल्या पुर्वगामी उपबंधां मदल्या खंयच्याय उपबंधा खाला जो भारताचो नागरीक आसा वा आसा म्हणपाचें मानतात अशे दर एके व्यक्तीचें नागरिकत्व संसद जो कसलोय कायदो करीत ताच्या उपबंधांचे अधीनतायेन चालू उरतलें.

**11. संसदेन नागरीकत्वाच्या अधिकारांचें कायद्या वरवीं विनेमन करप.—**ह्या भागाच्या पुर्वगामी उपबंधांतले खंयचेय बाबीक लागून नागरिकत्वाचें संपादन आनी समाप्ती आनी नागरिकत्व विशयक हेर सगल्यो बाबी हांचे संबंदीं कसलोय उपबंध करपाचो संसदेचो अधिकार उणो करूं नजो.

# भाग III
# मुळावे अधिकार

*सर्वसादारण*

**12. व्याख्या.**—ह्या भागांत संदर्भा प्रमाणें वा हेर तरेन गरज नासत जाल्यार, "राष्ट्र" ह्या उतरांत भारताचें सरकार वा संसद आनी राज्यांच्या संदर्भांत दर एका राज्याचें सरकार वा विधीमंडळ आनी भारताच्या राज्यक्षेत्रांतल्या वा भारत सरकाराच्या नियंत्रणा खालच्या सगल्या थळाव्या वा हेर प्राधिकरणांचो आसपाव आसा.

**13. मुळाव्या अधिकारां कडेन विसंगत आशिल्ले वा तांचें अल्पीकरण करपी कायदे.**——(1) ह्या संविधानाच्या आरंभाचे निकटपूर्व भारताच्या राज्यक्षेत्रांत लागू आशिल्ले सगले कायदे, जितले मेरेन ह्या भागाच्या उपबंधां कडेन विसंगत आसात तितले मेरेन ते अशा विसंगतीच्या आवाठा पुरते शून्य आसतले.

(2) ह्या भागान दिल्ले अधिकार काडून घेवपी वा तांचो संक्षेप करपी खंयचोय कायदो राष्ट्र करचें ना आनी ह्या पोटकलमाचो भंग करून केल्लो खंयचोय कायदो त्या भागाच्या आवाठा पुरतो शून्य आसतलो.

(3) ह्या अनुच्छेदांत, संदर्भा प्रमाणें वा हरशीं गरज नासत जाल्यार,—

(क) "कायदो" हातूंत भारताच्या राज्यक्षेत्रांत कायद्या इतलोच प्रभावी आशिल्लो खंयचोय अध्यादेश, आदेश, पोटनेम, नेम, विनेम, अधिसुचोवणी, रुढी वा परिपाठ हांचो आसपाव आसा;

(ख) "लागू आशिल्ले कायदे" हातूंत भारताच्या राज्यक्षेत्रांतल्या विधीमंडळान वा हेर सक्षम प्राधिकरणान ह्या संविधानाच्या आरंभ काळा पयलीं पास केल्ल्या वा केल्ल्या आनी आदीं निरसीत जावंक नाशिल्ल्या कायद्याचो आसपाव आसा, मागीर असो खंयचोय कायदो वा ताचो खंयचोय भाग त्या वेळार मात्तूय वा विशिश्ट क्षेत्रांनी लागू नासल्यारूय हरकत ना.

[1][(4) ह्या अनुच्छेदांतली खंयचीच बाब अनुच्छेद 368 खाला संविधानांत केल्ल्या खंयच्याच बदलाक लागू आसची ना.]

*समानतायेचो अधिकार*

**14. कायद्या मुखार समानताय.**—राष्ट्र, भारतांतल्या राज्यक्षेत्रांतले खंयचेच व्यक्तीक कायद्या मुखार समानताय वा कायद्यांची समान राखण न्हयकारचें ना.

**15. धर्म, वंश, जात, लिंग वा जल्मस्थानाच्या आदारार भेदभाव दाखोवपाक बंदी.**—(1) राष्ट्र फकत धर्म, वंश, जात, लिंग, जल्मस्थान ह्या वा हांचे मदल्या खंयच्याय कारणा वयल्यान खंयच्याच नागरिकाक प्रतिकूल जायत असो भेदभाव करचें ना.

(2) फकत धर्म, वंश, जात, लिंग, जल्मस्थान ह्या वा हांचे मदल्या खंयच्याय कारणा वयल्यान खंयचोच नागरीक—

---

[1] संविधान (चोविसावो बदल) अधिनेम, 1971, कलम 2 (5-11-1971 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

(क) दुकानां, भौशीक उपहारघरां, हॉटॅलां आनी भौशीक मनरिजवणेच्यो सुवातो हातूंत प्रवेश; वा

(ख) पुरायेन वा अंशतायेन राष्ट्राच्या दुडवांनी राखिल्ल्यां वा सर्वसामान्य जनतेच्या उपेगा खातीर समर्पीत अशो बांयो, तळीं, स्नानघाट, रस्ते आनी भौशीक राबित्याच्यो सुवातो हांचे वापर. हांचे विशीं कसलीच असमर्थताय, दायित्व, निर्बंध वा अट हांचे सुवादीन आसचे नात.

(3) ह्या अनुच्छेदांतले खंयचेच बाबीक लागून बायलो आनी भुरगीं हांचे खातीर कसलेय खाशेले उपबंध करूंक राष्ट्राक आडकाठी आसची ना.

[1][(4) ह्या अनुच्छेदांतले वा अनुच्छेद 29च्या पोटकलम (2) हातूंतले खंयचेच बाबीक लागून नागरिकां मदल्या समाजीक आनी शिक्षणीक नदरेन फाटीं आशिल्ल्या खंयच्याच वर्गाचे उदरगती खातीर वा अनुसुचीत जाती आनी अनुसुचीत जमाती हांचे खातीर कसलोय खाशेलो उपबंध करूंक राष्ट्राक आडकाठी आसची ना.]

[2][(5) ह्या अनुच्छेदांत वा अनुच्छेद 19च्या पोटकलम (1)च्या उप-पोटकलम (छ)त कितेंय आसलें तरी, राज्याक कायद्यान, नागरिकांच्या समाजीक आनी शिक्षणीक नदरेन खंयच्याच मागास वर्गांतल्या नागरिकांचे वा अनुसुचीत जातींतल्या वा अनुसुचीत जमातींतल्या नागरिकांचे उदरगती खातीर, खाशेले उपबंध करूंक कितेंच आडावचें ना, जे मेरेन अनुच्छेद 30च्या पोटकलम (1)त उल्लेखीत अल्पसंख्यांक शिक्षणीक संस्था सोडून, राज्य सरकारा कडल्यान अनुदानीत वा विना-अनुदानीत खासगी शिक्षणीक संस्थां सयत शिक्षणीक संस्थांनी प्रवेशा कडेन संबंदीत खाशेले उपबंध आसात.]

[3][(6) ह्या अनुच्छेदांत वा अनुच्छेद 19च्या पोटकलम (1) वा अनुच्छेद 29च्या पोटकलम (2) च्या उप-पोटकलम (छ) कांय राज्यांक,—

(क) पोटकलम (4) आनी (5)त उल्लेख केल्ल्या वर्गां भायर अर्थीक नदरेन नागरिकांच्या खंयच्याय दुबळ्या वर्गांची उदरगत करपा खातीर कसलेच खाशेले उपबंध; आनी

(ख) पोटकलम (4) आनी (5)त उल्लेख केल्ल्या वर्गां भायर अर्थीक नदरेन नागरिकांच्या कोणाय दुबळ्या वर्गांची उदरगत करपा खातीर कसलेय खाशेले उपबंध खासगी शिक्षणीक संस्थां सयत शिक्षणीक संस्थांनी तांच्या प्रवेशा कडेन संबंदीत आसा, ती राज्याच्या आदारान वा आदार नासतना, अनुच्छेद 30च्या पोटकलम (1)त उल्लेख केल्ल्या अल्पसंख्यांक शिक्षणीक संस्थां भायर, जी आरक्षणाचे बाबतींत सध्याच्या आरक्षणां भायर दर एका वर्गांतल्या वट्ट जाग्यांतल्या चडांत चड धा प्रतिश्यां खातीर आसतली.

---

[1] संविधान (पयलो बदल) अधिनेम, 1951, कलम 2 (18-6-1951 हे तारखे सावन लागू) वरवीं जोडलें.

[2] संविधान (त्र्याण्णवावो बदल) अधिनेम, 2005, कलम 2 (20-1-2006 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[3] संविधान (एकशें तिनावो बदल) अधिनेम, 2019, कलम 2 (14-1-2019 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

*फोडणिशी.*—ह्या अनुच्छेदांच्या आनी अनुच्छेद 16च्या उद्देशां खातीर, "अर्थीक नदरेन दुबळे विभाग" ते आसतले, जे कुटुंबाचे येणावळीच्या आदाराचेर आनी अर्थीक असुविधेच्या हेर निर्देशकांच्या आदाराचेर राज्यांनी वेळावेळार अधिसुचीत केल्ले आसतले.]

**16. भौशीक सेवायोजने संबंदांत संदीची समानताय.**—(1) राष्ट्राचे अखत्यारे खाला सेवायोजन वा खंयच्याय पदा वयली नियुक्ती हांचे संबंदींच्या बाबींनी सगल्या नागरिकांक समान संद आसतली.

(2) खंयचोच नागरीक फकत धर्म, वंश, जात, लिंग, कूळ, जल्मस्थान, राबितो ह्या वा हांचे मदल्या खंयच्याच कारणा वयल्यान राष्ट्राचे अखत्यारे खालची खंयचीच नोकरी वा पद हांचे खातीर अपात्र आसचो ना वा तांच्या संबंदांत ताका प्रतिकूल असो भेदभाव करचे नात.

(3) ह्या अनुच्छेदांतले खंयचेच बाबीक लागून, [1][खंयचेंय राज्य वा केंद्रशासीत प्रदेश हांच्या शासनाच्या वा तांच्यांतल्या खंयच्याय थळाव्या वा हेर प्राधिकरणाचे अखत्यारे खालच्या कसल्याच प्रकाराचें वा जायत्या प्रकारांचें सेवायोजन वा पदनियुक्ती हांचे संबंदांत अशें सेवायोजन वा नियुक्ती आदीं त्या राज्यांतल्या वा केंद्रशासीत प्रदेशांतल्या राबित्या विशीं कसलीय गरज दाखोवपी] खंयचोय कायदो करपाक संसदेक आडकाठी आसची ना.

(4) ह्या अनुच्छेदांतले खंयचेच बाबीक लागून, राष्ट्राच्या सेवांनी नागरिकां मदल्या ज्या खंयच्याय मागास वर्गांक राष्ट्राच्या मतान फावो तितलें प्रतिनिधित्व ना अशा वर्गां खातीर नियुक्ती वा पदां राखून दवरपा खातीर कसलोय उपबंध करूंक राष्ट्राक आडकाठी आसची ना.

[2][(4क) ह्या अनुच्छेदांतली खंयचीय बाब राज्यांतल्या मागाशिल्ल्या नागरिकांच्या [3][खंयच्याय वर्गाचे बाबतींत, जाचें प्रतिनिधित्व राज्याच्या मतान, राज्याचे सेवेंत फावो तितल्या प्रमाणांत] ना अशें दिसल्यार ते संबंदीं उपबंध करूंक कसलीच बाधा हाडची ना.]

[4][(4ख) ह्या अनुच्छेदांतले खंयचेच बाबीक लागून, पोटकलम (4) वा पोटकलम (4क) खाला केल्ल्या आरक्षणाच्या खंयच्याय उपबंधाक धरून, खंयच्याय वर्सांत भरपाक जी राखीव दवरल्या अश्या वर्सा भरूंक नाशिल्ले रिकामे जागे, फुडल्या खंयच्याय वर्सा वा वर्सांनी भरपाक जाय आशिल्ल्या रिकाम्या जाग्यांचो एक स्वतंत्र वर्ग म्हूण विचारांत घेवंक राज्याक प्रतिबंध जावचो ना आनी अशा रिकाम्या जाग्यांचो वर्ग, ज्या वर्सा ते भरतात, त्या वर्सांतल्या वट्ट रिकाम्या जाग्यांचेर पन्नास प्रतिशें इतली आरक्षणाची मर्यादा थारावंक, त्या वर्सांतल्या हेर रिकाम्या जाग्यां वांगडा जमेक धरचे नात.]

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पयले अनुसुचींत विनिर्दिश्ट केल्ल्या खंयच्याच राज्याचे वा ताच्या राज्यक्षेत्रांतल्या खंयच्याच थळाव्या वा हेर प्राधिकरणाचे अखत्यारे खालच्या कसल्याय प्रकाराचे वा जायत्या प्रकारांचे सेवायोजनेचे वा नियुक्ते पयलीं त्या राज्यांतल्या राबित्या विशीं कसलीच गरज विहीत करपी" हे सुवातेर घालें.

[2] संविधान (सत्यात्तरावो बदल) अधिनेम, 1995, कलम 2 (17-6-1995 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[3] संविधान (पंच्यायश्यांवो बदल) अधिनेम, 2001, कलम 2 (17-6-1995 हे तारखे सावन लागू) वरवीं कांय उतरां खातीर (पूर्वलक्षीपणान) घालें.

[4] संविधान (एक्यांयश्यांवो बदल) अधिनेम, 2000, कलम 2 (9-6-2000 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

(5) ह्या अनुच्छेदांतले कसलेच बाबीक लागून, खंयचेय धर्मीक वा संप्रदायीक संस्थेच्या कारभारा कडेन संबंदीत आशिल्ल्या पदाचो धारक वा तिच्या शासक मंडळाचो कोणूय वांगडी म्हणल्यार विशिश्ट धर्म आपणावपी वा खंयच्याय एका विशिश्ट संप्रदायाची व्यक्ती आसूंक जाय असो उपबंध करपी खंयच्याच कायद्याच्या प्रवर्तनाचेर परिणाम जावचो ना.

[1][(6) सध्याच्या आरक्षणा भायर, पोटकलम (4)त उल्लेख केल्ल्या वर्गां भायर, अर्थीक नदरेन दुबळ्या नागरिकांच्या खंयच्याय वर्गांच्या फायद्या खातीर नियुक्ती वा पदां आरक्षणाचो उपबंध करपाक राज्याक ह्या अनुच्छेदांतलें कितेंच प्रतिबंधीत करचें ना आनी दर एके श्रेणींतल्या पदांतल्या वर्गांत पदांचें प्रमाण चडांत चड धा प्रतिश्यां मेरेन आसचें.]

**17. अस्पृश्यतायेचो अंत.**—"अस्पृश्यताय" नानपयत केल्या आनी तिच्या कसल्याय स्वरुपांतल्या आचरणाचेर बंदी आसा. "अस्पृश्यतायेंतल्यान" उप्रासपी कसलीय निर्योग्यताय लादप हो कायद्या प्रमाणें ख्यास्त फावो जावपी गुन्यांव आसतलो.

**18. किताबांचेर बंदी.**—(1) सेनाविशयक वा विद्याविशयक मानविशेश नाशिल्लो असो कसलोच किताब राष्ट्र दिवचें ना.

(2) भारताच्या कोणाय नागरिकाक खंयच्याच परकी देशा कडल्यान कसलोच किताब स्विकारूंक मेळचो ना.

(3) भारताचो नागरीक नाशिल्ली खंयचीच व्यक्ती राज्याचे अखत्यारे खालचें कसलेंय लाभाचें वा विस्वासाचें पद सांबाळटा आसत जाल्यार तिका राष्ट्रपतीचे मान्यताये बगर खंयच्याच परकी देशा कडल्यान कसलोच किताब स्विकारूंक मेळचो ना.

(4) राष्ट्राचे अखत्यारे खालचें कसलेंय लाभाचें वा विस्वासाचें पद सांबाळपी खंयचेच व्यक्तीक राष्ट्रपतीचे मान्यताये बगर परकी देशा कडल्यान वा ताचे अखत्यारे खालच्या कसल्याच प्रकाराची भेट, परिलाभ वा पद स्विकारूंक मेळचें ना.

*स्वातंत्र्य - अधिकार*

**19. भाशण - स्वातंत्र्य आदी संबंदांत विशिश्ट अधिकारांची राखण.**—(1) सगल्या नागरिकांक—

(क) भाशण आनी अभिव्यक्ती हांचें स्वातंत्र्य;

(ख) शांततायेन आनी शस्त्रा बगर एकठांय जावप;

(ग) संघ वा संघटणा [2][वा सहकारी संस्था] घडोवप;

(घ) भारताच्या राज्यक्षेत्रांत सगल्याक मेकळेपणान संचार करप;

---

[1] संविधान (एकशें तिनावो बदल) अधिनेम, 2019, कलम 3 (14-1-2019 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[2] संविधान (सत्याण्णवावो बदल) अधिनेम, 2011, कलम 2 (8-2-2012 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

(ङ) भारताच्या राज्यक्षेत्रांत खंयच्याय भागांत रावप आनी स्थायीक जावप [1][आनी]

[2][(च) * * * * *]

(छ) कसलोय वेवसाय, उपजिविका, धंदो वा उदीमउद्देग आपणावपाचो अधिकार आसप.

[3][(2) पोटकलम (1)चें उप-पोटकलम (क) हातूंतले कसलेय बाबीक लागून, त्या उप-पोटकलमान प्रदान केल्ल्या अधिकाराच्या वापराचेर ज्या कायद्या वरवीं [4][भारताची सार्वभौमताय आनी एकात्मताय], राज्याची सुरक्षीतताय, परकी देशा वांगडा इश्टागतीचे संबंद, भौशीक सुवेवस्था, सभ्यताय वा नितीमत्ता हांच्या हिता खातीर वा न्यायालयाचो अवमान, अब्रुलुकसाणी वा गुन्यांवांक चिथावणी हांच्या संबंदांत जितले मेरेन फावोशे निर्बंध घाल्ले आसतीत तितले मेरेन अशा खंयच्याय विद्यमान कायद्याच्या प्रवर्तनाचेर परिणाम जावचो ना वा असो कसलोच कायदो करपाक राष्ट्राक आडकाठी आसची ना.]

(3) वयल्या पोटकलमाचें उप-पोटकलम (ख) हातूंतले कसलेय बाबीक लागून, वयल्या उप-पोटकलमान प्रदान केल्ल्या अधिकाराच्या वापराचेर ज्या कायद्या वरवीं [4][भारताची सार्वभौमताय आनी एकात्मताय वा] भौशीक सुवेवस्था हांच्या हिता खातीर जितले मेरेन, अशा खंयच्याच विद्यमान कायद्याच्या प्रवर्तनाचेर परिणाम जावचो ना वा असो कसलोच कायदो करपाक राष्ट्राक आडकाठी आसची ना.

(4) वयल्या पोटकलमाचें उप-पोटकलम (ग) हातूंतले कसलेच बाबीक लागून, वयल्या उप-पोटकलमान प्रदान केल्ल्या अधिकाराच्या वापराचेर ज्या कायद्या वरवीं [4][भारताची सार्वभौमताय आनी एकात्मताय वा] भौशीक सुवेवस्था आनी नितीमत्ता हांच्या हिता खातीर जितले मेरेन फावोशे निर्बंध घाल्ले आसतीत तितले मेरेन अशा खंयच्याच विद्यमान कायद्याच्या प्रवर्तनाचेर परिणाम जावचो ना वा असो कसलोच कायदो करपाक राष्ट्राक आडकाठी आसची ना.

(5) वयल्या पोटकलमांतल्या [5][उप-पोटकलम (घ) आनी (ङ)] हातूंतले खंयचेच बाबीक लागून वयल्या उप-पोटकलमांनी प्रदान केल्ल्या अधिकारां मदल्या खंयच्याय अधिकाराच्या वापराचेर ज्या कायद्या वरवीं सर्वसादारण जनतेच्या हिता खातीर वा खंयचेय अनुसुचीत जमातींच्या हितसंबंदांचे राखणे खातीर जितले मेरेन फावोशे निर्बंध घाल्ले आसतीत तितले मेरेन अशा खंयच्याच विद्यमान कायद्याच्या प्रवर्तनाचेर परिणाम जावचो ना वा असो कसलोच कायदो करपाक राष्ट्राक आडकाठी आसची ना.

---

[1] संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 2 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[2] कित्तो- कलम 2 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं उप-पोटकलम (च) काडलें.

[3] संविधान (पयलो बदल) अधिनेम, 1951, कलम 3 (पूर्वलक्षी प्रभावान) वरवीं पोटकलम (2) हे सुवातेर घालें.

[4] संविधान (सोळावो बदल) अधिनेम, 1963, कलम 2 (5-10-1963 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[5] संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 2 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "उप-पोटकलम (घ), (ङ) आनी (च)" हे सुवातेर घालें.

(6) वयल्या पोटकलमाचें उप-पोटकलम (छ) हातूंतले खंयचेय बाबीक लागून वयल्या उप-पोटकलमान प्रदान केल्ल्या अधिकाराच्या वापराचेर ज्या कायद्या वरवीं सर्वसादारण जनतेच्या हिता खातीर जितले मेरेन फावोशे निर्बंध घाल्ले आसतीत तितले मेरेन अशा खंयच्याच विद्यमान कायद्याच्या प्रवर्तनाचेर परिणाम जावचो ना वा असो कसलोच कायदो करपाक राष्ट्राक आडकाठी आसची ना, आनी, चड करून, [1][वयल्या उप-पोटकलमांतले खंयचेय बाबीक लागून जो कायदो,—

(i) खंयचोय वेवसाय आपणावपा खातीर वा खंयचोय उद्देग, धंदो, उदीम चलोवपा खातीर गरजेची आशिल्ली वेवसाया संबंदीं वा तंत्रविशयक पात्रताय; वा

(ii) नागरिकांक पुरायेन वा अंशतायेन वगळून वा हेर तरेन राष्ट्रान वा राष्ट्राचें धनीपण वा नियंत्रण आशिल्ल्या म्हामंडळान खंयचोय वेपार, धंदो, उद्देग वा सेवा चलोवप, हांचे ठांय जितले मेरेन संबद्ध आसत तितले मेरेन, अशा खंयच्याच विद्यमान कायद्याच्या प्रवर्तनाचेर परिणाम जावचो ना आनी असो कसलोच कायदो करपाक राष्ट्राक आडकाठी आसची ना.]

**20. गुन्यांवां खातीरचे दोशसिद्धी विशीं राखण.**—(1) जें कर्तूब म्हणल्यार गुन्यांव आसा असो दोशारोप जाल्लो आसत तें कर्तूब कोणेय व्यक्तीन करपा वेळार लागू आशिल्ल्या कायद्याचो ताका लागून भंग जाले बगर अशा खंयच्याच गुन्यांवाक लागून ती व्यक्ती गुन्यांवकार अशें थारावचे नात, तेच परीं तो गुन्यांव करपाच्या वेळार लागू आशिल्ल्या कायद्या खाला जी ख्यास्त जावं येताली ते परस चड ख्यास्तीक ती व्यक्ती पात्र आसा अशें थारावचे नात.

(2) एकाच गुन्यांवा खातीर एका परस चड फावटीं खंयचेच व्यक्तीचेर खटलो भरचे नात आनी तिका ख्यास्तूय जावची ना.

(3) खंयच्याय गुन्यांवाचो आरोप आशिल्ले खंयचेच व्यक्तीचेर स्वता आड गवाय जावपाची सक्ती करचे नात.

**21. जिवीत आनी व्यक्तीगत स्वातंत्र्य हांची राखण.**—कायद्या वरवीं प्रस्थापीत केल्ली कार्यपद्दत आपणायले बगर खंयचेच व्यक्तीक तिचें जिवीत आनी व्यक्तीगत स्वातंत्र्य हांचे पसून वंचीत करचे नात.

[2][**21क. शिक्षणाचो हक्क.**—राष्ट्र, स ते चवदा वर्सां पिरायेच्या सगल्या भुरग्यांक, राज्य कायद्या वरवीं निर्धारीत करता ते रितीन, फुकट आनी सक्तीचें शिक्षण दितले.]

**22. विशिश्ट प्रकरणांनी अटक आनी स्थानबद्धताये आड राखीव.**—(1) अटक केल्ले कोणेय व्यक्तीक, अशे अटकेचीं कारणां, जाता तितले बेगीन, तिका कळयले बगर सुरक्षेच्या निमतान स्थानबद्ध करून दवरूंक मेळचें ना आनी आपणाले पसंती प्रमाणें कायद्याचो वेवसायीक सल्लो घेवपाचो आनी ताचे वरवीं आपणालो बचाव करपाचो अधिकार तिका न्हयकारचे नात.

---

[1] संविधान (पयलो बदल) अधिनेम, 1951, कलम 3 (18-6-1951 हे तारखे सावन लागू) वरवीं विशिश्ट उतरांचे सुवातेर घालें.
[2] संविधान (शांयश्यांवो बदल) अधिनेम, 2002, कलम 2 (1-4-2010 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

(2) जिका अटक केल्या आनी स्थानबद्ध केल्या अशे दर एके व्यक्तीक अटकेचे सुवाते सावन सगल्यांत लागींच्या दंडाधिकाऱ्याच्या न्यायालया मेरेनच्या प्रवासाक गरजेचो तो वेळ वगळून, अशे अटके सावन चोवीस वरांच्या काळा भितर त्या दंडाधिकाऱ्या मुखार हाजीर करतले आनी अशे खंयचेच व्यक्तीक वयर सांगलां त्या कालावधी उपरांत दंडाधिकाऱ्यान प्राधिकृत केल्या बगर कादयेंत स्थानबद्ध करूंक मेळचें ना.

(3) पोटकलम (1) आनी (2) हातूंतली खंयचीच बाब अशे व्यक्तीक लागू जावची ना जी व्यक्ती—

(क) त्या-त्या वेळार दुस्मान देशांतली आसत अशे खंयचेच व्यक्तीक; वा

(ख) प्रतिबंधक स्थानबद्धतायेचो उपबंध करपी खंयच्याय कायद्या खाला अटक केल्या वा तिका स्थानबद्ध केल्या अशे व्यक्तीक.

*(4) प्रतिबंधक स्थानबद्धतायेचो उपबंध करपी खंयचोच कायदो खंयचेच व्यक्तीक तीन म्हयन्यां परस चड काळ स्थानबद्धतायेंत दवरपाचो प्राधिकार दिवचो ना जे मेरेन—

(क) समुचीत उच्च न्यायालयाच्या मुख्य न्यायमुर्तींचे शिफारशी प्रमाणें घडयिल्ल्या सल्लागार मंडळान वयर सांगलां तो तीन म्हयन्यांचो काळ सोंपचे आदीं, आपणाल्या मतान, अशे स्थानबद्धतायेक फावोशें कारण आसा असो अभिप्राय दिल्लो ना:

---

* संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 3 (तारीख अजून अधिसुचीत जावची आसा) वरवीं पोटकलम (4) हे सुवातेर जशें—

"(4) प्रतिबंधक अटकेचो उपबंध करपी कसलोय कायदो दोन म्हयन्यां वयर कोणेय व्यक्तीचे अटकेक अधिकार दिवचो ना सोडून जेन्ना योग्य उच्च न्यायालयाच्या मुखेल न्यायाधिशाचे सुचोवणेक धरून स्थापिल्ल्या सल्लागार मंडळान दोन म्हयन्यांचो काळ सोंपचे पयलीं आपल्या मतान अशे अटकेक फावोशें कारण आसा अशें कळयलां:

ताका शर्त अशी कीं, सल्लागार मंडळांत एक अध्यक्ष आनी दोनां परस उणे न्हय अशे हेर वांगडी आनी अध्यक्ष हो फावोश्या उच्च न्यायालयाचो कार्यकारी न्यायाधीश आसतलो आनी हेर वांगडी खंयच्याय उच्च न्यायालयाचे कार्यकारी वा निवृत न्यायाधीश आसतले:

ताका आनीक शर्त अशी कीं, ह्या पोटकलमांत आशिल्ले कितेंच खंयच्याय मनशाची संसदेंत पोटकलम (7)च्या उप-पोटकल (क)त केल्ल्या कसल्याय कायद्यान सुचयिल्ल्या चडांत चड काळा परस चड काळाचे अटकेक मान्यताय दिवचें ना.

*फोडणिशी.*—ह्या पोटकलमांत "फावोशें उच्च न्यायालय" म्हणजे,—

(i) भारत सरकारान दिल्ल्या अटकेच्या आदेशाक धरून कोणेय व्यक्तीचे अटके बाबतींत वा त्या सरकाराक, अधिकाऱ्याक वा सरकारा खालचे अधिकारिणीक दिल्ली केंद्रशासीत प्रदेशाच्या उच्च न्यायालयाक;

(ii) खंयचेंय राज्य (केंद्रशासीत प्रदेश सोडून) सरकारान केल्ल्या अटकेच्या आदेशाक धरून केल्ले कोणाचेय अटकेचे बाबतींत त्या राज्याच्या उच्च न्यायालयान; आनी

(iii) एका केंद्रशासीत प्रदेशाचो प्रशासक वा अधिकारी वा अशा प्रशासका सकयली अधिकारिणी हाच्या आदेशाक धरून कोणाय मनशाचे अटकेचे बाबतींत, अश्या उच्च न्यायालयान जाका नेमिल्ले आसत वा हे बाबतींत संसदेन केल्ल्या खंयच्याय कायद्या सकयल.".

ताका शर्त अशी कीं, ह्या उप-पोटकलमांतली खंयचीय बाब कोणेय व्यक्तीक हो चडांत चड असो तीन म्हयन्यांच्या कालावधी मेरेन प्रतिबंधीत करपाक संसदेन पोटकलम (7)चें उप-पोटकलम (ख) हांचे अधीनतायेन संसदेन कसलोय कायदो केल्लो आसल्यार ते खातीर प्राधिकृत करचे नात; वा

(ख) पोटकलम (7)चें उप-पोटकलम (क) आनी (ख) हांचे अधीनतायेन संसदेन केल्ल्या खंयच्याय कायद्याच्या उपबंधा प्रमाणें अशे व्यक्तीक निरुद्ध करचे नात.

(5) जेन्ना कोणेय व्यक्तीक प्रतिबंधक स्थानबद्धताये संबंदीं उपबंध करपी खंयच्याय कायद्याचे अधीनतायेन केल्लो आदेश अनुसरपाक आडायतले तेन्ना असो आदेश दिवपी प्राधिकारी जाता तितले बेगीन ते व्यक्तीक तो आदेश खंयच्या आदाराचेर केला तें कळयतलो आनी ताचे आड अपील करपाक अवधी दितलो.

(6) पोटकलम (5)तलें कांयच, त्या पोटकलमांत निर्देशीत असो कसलोय आदेश दितल्या प्राधिकरणाक जीं तथ्यां जाहीर करप भौशीक हिता आड आसा अशें दिसता तीं उक्तीं करप गरजेचें करचें ना.

(7) संसदेच्यान कायद्या वरवीं निश्चीत करूं येता की—

*(क) खंयचे परिस्थितीचे अधीनतायेन आनी खंयच्या प्रकाराच्या वा प्रकारांच्या बाबींनी कोणेय व्यक्तीक प्रतिबंधाचो उपबंध करपी खंयच्या खंयच्या कायद्यान तीन म्हयन्यां परस चड कालावधी खातीर पोटकलम (4)च्या उप-पोटकलम (क)च्या उपबंधां खाला सल्लागार मंडळाचो सल्लो घेतल्या बगर स्थानबद्ध करूं येता;

**(ख) खंयच्याय प्रकाराच्या वा प्रकारांच्या बाबींनी चडांत चड कितलो काळ मेरेन कोणेय व्यक्तीक खंयच्या कायद्याच्या उपबंधांचे अधीनतायेन स्थानबद्धतायेंत दवरूं येता; आनी

***(ग) **** पोटकलम (4)च्या उप-पोटकलम (क)चे अधीनतायेन करपाचे चवकशेंत सल्लागार मंडळान आपणावपाची प्रक्रिया कशी आसूं येता.

---

* संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 3(ख)(i) (तारीख अधिसुचीत करपाची उरल्या) वरवीं उप-पोटकलम (क) काडलें.

** कित्तो- कलम 3(ख)(ii) (तारीख अधिसुचीत करपाची उरल्या) वरवीं उप-पोटकलम (क) हें उप-पोटकलम (ख) अशें फेरअक्षरीकृत करतले.

*** कित्तो- कलम 3(ख)(iii) (तारीख अधिसुचीत करपाची उरल्या) वरवीं उप-पोटकलम (ख) हें उप-पोटकलम (ग) अशें फेरअक्षरीकृत करतले.

**** कित्तो- कलम 3(ख)(iii) (तारीख अधिसुचीत करपाची उरल्या) पोटकलम (4)चें उप-पोटकलम (क) हें “पोटकलम (4)” अशें परत बरयतले.

*पिळणुके आड अधिकार*

**23. मनशांचो अपवेपार आनी वेठबिगारी हांचेर बंदी.**—(1) मनशांचो अपवेपार आनी वेठबिगारी वा ताचे सारकेली हेर स्वरुपांतली वेठबिगारी हांकां मनाय केल्या आनी ह्या उपबंधांचें कसलेय तरेन उल्लंघन करप हो कायद्यान ख्यास्त फावता असो गुन्यांव आसतलो.

(2) भौशीक प्रयोजनां खातीर सक्तीन सेवा करूंक लावपाक राष्ट्राक ह्या अनुच्छेदांतले कसलेच बाबीक लागून आडकाठी जावची ना आनी अशें सेवाबंधन लायतना फकत धर्म, वंश, जात वा वर्ग ह्या वा हांचे मदल्या कसल्याय कारणा वयल्यान राष्ट्र कसलोच भेदभाव करचें ना.

**24. ल्हान भुरग्यांक कारखान्यांनी वा हेर कडेन कामाक दवरपाचेर बंदी.**—चवदा वर्सां पिराये खालच्या कोणाय भुरग्याक खंयच्याच कारखान्यांत वा खणीर काम करपा खातीर नोकरेक दवरचे नात वा हेर कसल्याय घाताच्या कामाचेर ताची नियुक्ती करचे नात.

*धर्म स्वातंत्र्याचो अधिकार*

**25. अंतस्कर्णाचें स्वातंत्र्य आनी धर्माचें मुक्त प्रतिज्ञापन, आचरण आनी प्रसार करपाचें स्वातंत्र्य.**—(1) भौशीक सुवेवस्था, नितीमत्ता आनी भलायकी हांच्या ह्या भागांतल्या हेर उपबंधांच्या आदारान अंतस्कर्णाच्या स्वातंत्र्याक आनी धर्म मुक्तपणान प्रतिज्ञापीत करपाच्या, आचरणांत हाडपाच्या आनी ताचो प्रसार करपाच्या अधिकाराक सगल्यो व्यक्ती सारक्यो हकदार आसतल्यो.

(2) ह्या अनुच्छेदांतले कसलेच बाबीक लागून—

(क) धर्माचरणा कडेन संबंदीत आसत अश्या कसल्याय अर्थीक, वित्तीय, राजनितीक वा हेर धार्मिकेतर कार्यांचें विनेमन करपी वा ताचेर निर्बंध घालपी;

(ख) समाजीक कल्याण आनी सुदारप हांचे संबंदीं वा भौशीक स्वरुपाच्यो हिंदू धर्मीक संस्था, हिंदूंचे सगले वर्ग आनी पोटभेद हांकां उकते करपा विशींचे उपबंध करपी, कसल्याय विद्यमान कायद्याच्या प्रवर्तनाचेर परिणाम जावचो ना वा असो कसलोय कायदो करपाक राष्ट्राक आडकाठी आसची ना.

*फोडणिशी I*.—कृपाणां धारण करप आनी स्वता वांगडा बाळगप हें शीख धर्माच्या प्रतिज्ञापनांत आसपावीत केलां अशें मानतले.

*फोडणिशी II*.—पोटकलम (2)च्या उप-पोटकलम (ख) हातूंत हिंदू ह्या उतराच्या उल्लेखांत शीख, जैन वा बौद्ध धर्म प्रतिज्ञापीत करपी व्यक्तींचो उल्लेख आसपावला असो ताचो अर्थ लायतले आनी हिंदू धर्मीक संस्थांच्या उल्लेखाचो अर्थूय तेच प्रमाणें लायतले.

**26. धर्मा संबंदींच्या वेव्हारांची वेवस्था पळोवपाचें स्वातंत्र्य.**—भौशीक सुवेवस्था, नितीमत्ता आनी भलायकी हांचे अधीनतायेन, दर एका धर्मीक संप्रदायाक वा तांचे मदल्या खंयच्याय गटाक—

(क) धर्मीक आनी धर्मदायी प्रयोजनां खातीर संस्थांची स्थापना करून त्यो स्वखर्चान चलोवपाचो;

(ख) धर्मीक बाबींनी आपणाल्या वेव्हारांची वेवस्था पळोवपाचो;

(ग) जंगम आनी स्थावर संपत्तींचें धनीपण आसपाचो आनी तांचें संपादन करपाचो; आनी

(घ) कायद्या प्रमाणें अश्या संपत्तींचें प्रशासन करपाचो अधिकार आसतलो.

**27. खंयच्याय विशिश्ट धर्माच्या संवर्धना खातीर कर दिवपा संबंदांतलें स्वातंत्र्य.**—जांची येणावळ खंयच्याय विशिश्ट धर्माचें वा धर्मीक संप्रदायाचें संवर्धन करपा खातीर वा तो चालू दवरपा खातीर विनिर्दिश्टपणान विनियोजीत केल्ले आसा अशे कसलेय कर दिवपाची खंयचेच व्यक्तीचेर सक्ती करचे नात.

**28. विशिश्ट शिक्षणीक संस्थांनी धर्मीक शिक्षण वा धर्मीक उपासना हांकां हाजीर रावपा संबंदांत स्वातंत्र्य.**—(1) पुरायेन राष्ट्राच्या दुडवांतल्यान चलयतात अशे खंयचेच शिक्षणीक संस्थेंत कसलेंच धर्मीक शिक्षण दिवचे नात.

(2) जी शिक्षणीक संस्था राष्ट्रा कडल्यान प्रशासीत जाता आसली तरीय, अशे संस्थेंत धर्मीक शिक्षण दिवप गरजेचें करपी कसलोय दाननिधी वा प्रतिश्ठान हाचे खाला ती स्थापन जाल्ली आसत तिका पोटकलम (1) हातूंतली कसलीच बाब लागू जावची ना.

(3) राष्ट्रान मान्यताय दिल्ले वा राष्ट्राच्या दुडवांतल्यान आदार मेळटा अशे खंयचेय शिक्षणीक संस्थेंत जें कितें धर्मीक शिक्षण दितले, तातूंत भाग घेवपा संबंदीं वा तिचे कडेन संबंदीत आशिल्ले खंयचेय सुवातेंत जी कितें धर्मीक उपासना चलयतले तिका हाजीर रावपा विशीं अशे संस्थेंत वचपी खंयचेच व्यक्तीन वा अशी व्यक्ती अज्ञान आसल्यार तिच्या पालकान आपणाली संमती दिले बगर, अशे व्यक्तीक तशें करप गरजेचें करचे नात.

*संस्कृतीक आनी शिक्षणीक अधिकार*

**29. अल्पसंख्यांक समाजाच्या हितांची राखण.**—(1) भारताच्या राज्यक्षेत्रांत वा ताच्या खंयच्याय भागांत रावपी खंयच्याय नागरीक गटाक आपणाली स्वताची वेगळी भास, लिपी वा संस्कृताय आसत जाल्यार ती सांबाळून दवरपाचो अधिकार आसतलो.

(2) राज्याच्या खर्चान चलपी वा राज्याच्या दुडवांतल्यान आदार मेळटा अशे खंयचेय शिक्षणीक संस्थेंत खंयच्याच नागरिकाक फकत धर्म, वंश, जात, भास ह्या वा हातूंतल्या खंयच्याय कारणा वयल्यान प्रवेश नाकारचे नात.

**30. शिक्षणीक संस्था स्थापन करपाचो आनी तांचें प्रशासन चलोवपाचो अल्पसंख्यांकांचो अधिकार.**—(1) धर्म वा भास हांचेर आदारून अल्पसंख्यांक आशिल्ल्या सगल्या समाजांक आपणाले पसंतेच्यो शिक्षणीक संस्था स्थापन करपाचो आनी तांचें प्रशासन चलोवपाचो अधिकार आसतलो.

[1][(1क) पोटकलम (1) हातूंत निर्दिश्ट केल्ले प्रमाणें खंयच्याय अल्पसंख्यांक समाजान स्थापन केल्ले आनी चलयिल्ले शिक्षणीक संस्थेचे खंयचेय संपत्तीचें सक्तीन संपादन करपाचो उपबंध करपी कसलोय कायदो करतना राष्ट्र अशे संपत्तीच्या संपादना खातीर अशा कायद्यान थारायिल्ले वा ताचे खाला निश्चीत केल्ले रकमेक लागून त्या पोटकलमा खाला हमी दिल्लो अधिकार निर्बंधीत वा निराकृत जावचो ना अशे तरेची ती रक्कम आसतली अशी खात्रीलायक तजवीज करतलें.]

(2) शिक्षणीक संस्थांक पालव दितना राष्ट्र, खंयचीय शिक्षणीक संस्था ही धर्म वा भास हांचेर आदारून अल्पसंख्यांक आशिल्ल्या खंयच्याय अल्पसंख्यांक समाजाच्या वेवस्थापना खाला आसा ह्या कारणा वयल्यान तिचे आड भेदभाव करचें ना.

[2]* * * *

**31.** [*संपत्तीचें सक्तीन संपादन.*]—*संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम,* 1978, *कलम* 6 (20-6-1979) *वरवीं काडलें.*

[3]*[विशिश्ट कायद्यांचो आडवाद]*

**[4][31क. संपदांच्या संपादना खातीर उपबंध करपी कायद्याचो आडवाद, आदी.**—[5][(1) अनुच्छेद 13त कितेंय आसलें तरी,

(क) खंयचेय संपदेचें वा तिच्यांतल्या खंयच्याय अधिकारांचें राज्यान संपादन करप वा अशे कसलेय अधिकार ना करप वा तातूंत आपरिवर्तन करप; वा

(ख) खंयचेय संपदेच्या वेवस्थापनाचो राज्यान भौशीक हिता खातीर वा ते संपदेचें फावो ते तरेन वेवस्थापन जावचें हे खातीर मर्यादीत काळा पुरतो ताबो घेवप; वा

(ग) दोन वा चड म्हामंडळांचें, भौशीक हिता खातीर वा तांचे मदल्या खंयच्याय म्हामंडळाचें फावो ते तरेन वेवस्थापन जावचें हे खातीर संमिलन करप; वा

(घ) म्हामंडळांचें वेवस्थापन, म्हामंडळांचे अभिकर्ते, सचीव वा भांडारी, वेवस्थापकी संचालक, संचालक वा वेवस्थापक हांचे कसलेय अधिकार वा म्हामंडळांच्या भागधारकांचे कसलेय मतदानाचे अधिकार ना करप वा तातूंत आपरिवर्तन करप; वा

---

[1] संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 4 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[2] कित्तो- कलम 5 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं उपशिर्शक "संपदेचो अधिकार" काडलो.

[3] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 3 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[4] संविधान (पयलो बदल) अधिनेम, 1951, कलम 4 (पूर्वलक्षी प्रभावान) वरवीं निविश्ट केलें.

[5] संविधान (चवथो बदल) अधिनेम, 1955, कलम 3 (पूर्वलक्षी प्रभावान) वरवीं पोटकलम (1) हे सुवातेर घालें.

(ङ) कसलेंय खनीज वा खनीज तेल हांचो सोद घेवपाच्या वा तें खणून काडपाच्या प्रयोजना खातीर आशिल्ल्या खंयच्याय कराराच्या, भाडेंपट्टेच्या वा परवान्याच्या आदारार उप्रासपी खंयचेय अधिकार ना करप वा तातूंत आपरिवर्तन करप वा असो खंयचोय करार, भाडेंपट्टी वा परवानो मुजती पयलीं समाप्त करप वा रद्द करप,

हाचे खातीर उपबंध करपी कसलोय कायदो, [1][अनुच्छेद 14 वा अनुच्छेद 19] हांणी प्रदान केल्ल्या अधिकारां मदल्या खंयच्याय अधिकारा कडेन विसंगत आसा, वा त्या कायद्याक लागून असो अधिकार काडून घेतिल्ले वरी जाता वा त्या अधिकाराचो संकोच जाता ह्या कारणा वयल्यान तो शून्य आसा अशें मानचे नात:

ताका शर्त अशी कीं, असो कायदो हो खंयच्याय राज्याचे विधानसभेन केल्लो कायदो आसत जाल्यार, ह्या अनुच्छेदाचे उपबंध तो कायदो राष्ट्रपतीच्या विचारा खातीर राखून दवरला आसत जाल्यार ताका ताची मान्यताय मेळ्ळे बगर, त्या कायद्याक लागू जावच्यो नात:]

[2][ताका आनीक शर्त अशी कीं, जर खंयच्याय कायद्यांत खंयचेय संपदेचें राज्यान संपादन करपा संबंदीं उपबंध केला आसत आनी तातूंत आसपाविल्ली खंयचीय जमीन कोणेय व्यक्तीन स्वता आपूण कसचे खातीर ताब्यांत दवरिल्ली आसत जाल्यार, अशी जमीन थोड्या काळा खातीर अंमलांत आशिल्ले जमीन धारणा मर्यादे भितर आसत जाल्यार, वा तिचेर उबी आशिल्ली वा तिचेंच एक आंग जावन आशिल्ली खंयचीय इमारत वा इमलो हांच्या संपादना कडेन संबंदीत आशिल्ल्या कायद्यांत तांच्या बाजार मोला परस उणी आसची ना अशे दरेन भरपाय दिवपा संबंदांत उपबंध केल्या बगर त्या-त्या काळांत विद्यमान आशिल्ल्या खंयच्याय कायद्या प्रमाणें ते व्यक्तीक लागू आशिल्ले चडांत चड मर्यादे भितर आशिल्लो अशे जमनीचो खंयचोच भाग वा अशी इमारत वा इमलो हांचें राज्यान संपादन करप कायदेशीर थारचें ना.]

(2) ह्या अनुच्छेदांत,—

[3][(क) "संपदा" हें उतर, वा ताचें थळावें समानार्थी उतर हाका, खंयच्याय थळाव्या वाठारांत लागू आशिल्लें जमीन धारणा पद्धती कडेन संबंदीत अशा विद्यमान कायद्यांत जो अर्थ आसत, तोच अर्थ त्या वाठाराच्या संबंदांत आसतलो आनी तातूंत-

(i) खंयचीय *जागीर, इनाम वा मुआफी* वा हांचे सारकेली हेर देणगी आनी [4][तमीळनाडू] आनी केरळ ह्या राज्यांनी खंयचोय *जल्म* हक्क;

(ii) रयतवारी जमाबंदे खाला ताब्यांत आशिल्ली खंयचीय जमीन;

(iii) पडींग जमीन, रानजमीन, चरवा मळां वा शेतकामा खातीर कसपी, शेतमजूर आनी ग्रामीण कारागीर हांच्या ताब्यांतल्यो इमारती आनी हेर इमले हांच्यो सुवातो धरून, शेताच्या कामां खातीर वा शेतकामाक आदाराच्या अशा वावरा खातीर ताब्यांत दवरिल्ली वा भाडेंपट्टेन दिल्ली खंयचीय जमीन;]

---

[1] संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 7 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "अनुच्छेद 14, अनुच्छेद 19 वा अनुच्छेद 31" हे सुवातेर घालें.

[2] संविधान (सतरावो बदल) अधिनेम, 1964, कलम 2(i) (20-6-1964 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[3] कित्तो- कलम 2(ii) (पूर्वलक्षी प्रभावान) वरवीं उप-पोटकलम (क) हे सुवातेर घालें.

[4] मद्रास राज्य (नांवांत फेरबदल) अधिनेम, 1968 (1968चो 53वो), कलम 4 (14-1-1969 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "मद्रास" हे सुवातेर घालें.

(ख) संपदेच्या संबंदांतल्या "हक्क" ह्या उतरांत, स्वामी, उपस्वामी, अवरस्वामी, धृतिधारक, [1][रयत, अवर रयत] वा हेर मध्यस्त हांचे ठांय थारावन दिल्ले कसलेय अधिकार आनी जमीन म्हासुला संबंदांतले कसलेय अधिकार वा विशेशाधिकार हांचो आसपाव आसतलो.

[2][**31ख. आडवादाचे अधिनेम आनी विनेम हांचें विधीग्राह्यीकरण.**—अनुच्छेद 31क हातूंत आसपावीत आशिल्ल्या उपबंधांचे व्यापकतायेक बादा येनासतना, णववे अनुसुचींत विनिर्दिश्ट केल्ल्यांतलो खंयचोच अधिनेम आनी विनेम वा हांच्या उपबंधांतलो कसलोय उपबंध हो ह्या भागाच्या कसल्याय उपबंधांनी प्रदान केल्या हक्कांतल्या कसल्याय हक्का कडेन विसंगत आसा वा ताका लागून तो हक्क काडून घेतिल्ले वरी जाता वा त्या हक्काचो संकोच जाता ह्या कारणा वयल्यान असो अधिनेम, विनेम वा उपबंध शून्य आसा वा केन्ना तरी शून्य जाला अशें मानचे नात आनी खंयच्याय न्यायालयाचो वा न्यायाधिकरणाचो खंयचोय न्यायनिर्णय, हुकूमनामो वा आदेश विरोधी आसलो तरी, खंयच्याच सक्षम विधीमंडळाक वयल्या अधिनेमांतलो आनी विनेमांतलो दर एक अधिनेम आनी विनेम काडून उडोवपाचे वा बदलपाचे जे अधिकार आसतले तांचे अधीनतायेन त्या दर एकाचो अंमल चालू उरतलो.]

[3][**31ग. विशिश्ट, निदेशक तत्वां चालीक लावपी कायद्यांचे आडवाद.**—अनुच्छेद 13त कितेंय आसपावीत केल्लें आसलें तरी [4][IVव्या भागांत घालून दिल्लीं सगलीं वा तातूंतलीं खंयचींय तत्वां] सारकीं थारावपाचें राज्याचें धोरण चालीक लावपी खंयचोय कायदो हो [5][अनुच्छेद 14 आनी अनुच्छेद 19;] हांणी प्रदान केल्ल्या हक्कांतल्या खंयच्याय हक्का कडेन विसंगत आसा वा त्या कायद्याक लागून तो अधिकार काडून घेतिल्ले वरी जाता वा त्या अधिकाराचो संकोच जाता ह्या कारणा वयल्यान तो शून्य आसा अशें मानचे नात, [6]*[आनी खंयचोय कायदो अशें धोरण चालीक लावपा खातीर येवजिल्लो आसा अशें प्रगटन त्या कायद्यांत आसपावीत आसत जाल्यार असो खंयचोय कायदो, तो अशें धोरण चालीक लायना ह्या कारणा वयल्यान खंयच्याच न्यायालयांत प्रस्नास्पद करूंक मेळचो ना]*:

ताका शर्त अशी कीं, असो कायदो राज्य विधानसभेन केल्लो आसत जाल्यार, तो कायदो राष्ट्रपतीच्या विचारा खातीर राखून दवरिल्लो आसल्यार ताका, राष्ट्रपतीची मान्यताय मेळ्ळे बगर ह्या अनुच्छेदाचे उपबंध लागू जावचे नात.]

[7]**31घ.** [*राष्ट्र-विरोधी कर्तुबांच्या संबंदांतल्या कायद्यांचे आडवाद.*]**.**—*संविधान (त्रेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1977, कलम 2 (13-4-1978 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें.*

---

[1] संविधान (चवथो बदल) अधिनेम, 1955, कलम 3 (पूर्वलक्षी प्रभावान) वरवीं निविश्ट केलें.

[2] संविधान (पयलो बदल) अधिनेम, 1951, कलम 5 (18-6-1951 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[3] संविधान (पंचविसावो बदल) अधिनेम, 1971, कलम 3 (20-4-1972 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[4] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 4 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "अनुच्छेद 39चें पोटकलम (ख) वा पोटकलम (ग) हातूंत विनिर्दिश्ट तत्वां" हे सुवातेर घालें. कलम 4 हें सर्वोच्च न्यायालयान *मिनर्वा मिल्स लिमिटेड आनी हेर आड भारतीय संघराज्य आनी हेर,* AIR 1980 SC 1789 ह्या निवाड्यांत अग्राह्य घोशीत केलें.

[5] संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 8 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "अनुच्छेद 14, अनुच्छेद 19 वा अनुच्छेद 31" हे सुवातेर घालें.

[6] *केशवानन्द भारती आड केरळ राज्य,* AIR 1973, SC 1461 हातूंत सर्वोच्च न्यायालयान रद्द केल्लीं तिरपीं उतरां.

[7] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 5 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

*संविधानीक उपायांचो हक्क*

**32. ह्या भागान प्रदान केल्ल्या हक्कांचे बजावणे खातीर उपाय.**—(1) ह्या भागान प्रदान केल्ल्या हक्कांचे बजावणे खातीर समुचीत कारवाये वरवीं सर्वोच्च न्यायालयाक अर्ज विनंती करपाच्या हक्काची हमी दिल्या.

(2) ह्या भागान प्रदान केल्ल्या हक्कां भितरल्या खंयच्याय हक्काचे बजावणे खातीर, समुचीत आसतीत ते ते निदेश वा आदेश वा *हेबियस कॉर्पस (देहोपस्थिती), मांदामुस (महादेश),* प्रोहिबीशन (प्रतिरोध), *को वॉरंटो (क्वाधिकार) आनी सेर्शियोराराय (प्राकर्शण),* ह्या स्वरुपांच्या प्राधिलेखां सयत प्राधिलेख काडपाचो सर्वोच्च न्यायालयाक अधिकार आसतलो.

(3) पोटकलम (1) आनी पोटकलम (2) वरवीं सर्वोच्च न्यायालयाक प्रदान केल्ल्या अधिकारांक बादा हाडिनासतना पोटकलम (2) खाला सर्वोच्च न्यायालयाच्यान वापरू येतात अशे सगले वा तातूंतले खंयचेय अधिकार हेर खंयच्याय न्यायालयाक आपणाले अधिकारितायेचे थळावे शिमे भितर वापरपाक संसदेच्यान कायद्या वरवीं अधिकार प्रदान करू येता.

(4) ह्या संविधानान हेर तरेन उपबंध केल्या आसत तितलें सोडून हरशीं ह्या अनुच्छेदान हमी दिल्लो अधिकार निलंबीत करचे नात.

[1]**32क.** *[राज्याच्या कायद्यांचे संविधानीक वैधतायेचेर अनुच्छेद 32 खाला कारवायेंत विचार करप ना]*.—*संविधान (त्रेचाळिसावो बदल) अधिनेम,* 1977, *कलम* 3 *(13-4-1978 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें.*

[2]**[33. ह्या भागान प्रदान केल्ले अधिकार सशस्त्र दळांक लागू करतना तातूंत आपरिवर्तन करपाचो संसदेक अधिकार.**—ह्या भागान प्रदान केल्ल्यां मदले खंयचेय अधिकार संसदेच्यान कायद्या वरवीं—

(क) सशस्त्र दळांच्या वांगड्यांक; वा

(ख) भौशीक सुवेवस्था राखपी दळांच्या वांगड्यांक; वा

(ग) अन्वेशण तपास वा चवकशे खातीर राज्यान घडयिल्ल्या कसल्याय ब्युरो वा हेर संघटणांचे चाकरेंत आशिल्ल्या वांगड्यांक; वा

(घ) पोटकलम (क) ते पोटकलम (ग) हातूंत निर्दिश्ट केल्लें खंयचेंय दळ, ब्युरो वा संघटणा हांच्या प्रयोजना खातीर स्थापन केल्ले दूरसंचार वेवस्थेंत चाकरी करपी वा तांचे कडेन संबंदीत व्यक्तींक,

तांच्या कर्तव्यांचें योग्य तरेन पालन जावपाचे आनी तांचे मदीं शिस्त येवपाचे नदरेन खात्री करूंक कितले मेरेन निर्बंधीत वा निराकृत करूं येता हें निर्धारीत करूं येता.]

---

[1] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 6 (1-2-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[2] संविधान (पन्नासावो बदल) अधिनेम, 1984, कलम 2 (11-9-1984 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 33 घालो.

**34. खंयच्याय क्षेत्रांत लश्करी कायदो लागू आसत तेन्ना ह्या भागान प्रदान केल्ल्या हक्कांचेर निर्बंध.**—ह्या भागाच्या पुर्वगामी तरतुदींनी कितेंय आसलें तरी, भारताच्या राज्यक्षेत्रांत जंय लश्करी कायदो लागू आशिल्लो अशा खंयच्याय वाठारांत सुवेवस्था राखप वा ती पयलींचे वरी प्रस्थापीत करप ह्या संबंदांत संघराज्याचे वा राज्याचे सेवेंतले खंयचेय व्यक्तीन वा हेर खंयचेय व्यक्तीन केल्ले कसलेय कृती संबंदांत संसदेच्यान कायद्या वरवीं तिचें दायित्व निराकरण करूं येता वा अशा वाठारांतल्या लश्करी कायद्या खाला दिल्लो कसलोय शिक्षादेश, ख्यास्त, समपहरणाचो आदेश वा केल्ली हेर कृती हांकां विधीग्राह्य करूं येता.

**35. ह्या भागाच्या उपबंधांची बजावणी करपा खातीर विधीविधान.**—ह्या संविधानांत कितेंय आसलें तरी,—

(क) कायदो करपाचो अधिकार संसदेक आसतलो आनी राज्याच्या विधीमंडळाक आसचो ना, तो असो—

(i) अनुच्छेद 16चें पोटकलम (3), अनुच्छेद 32चें पोटकलम (3), अनुच्छेद 33 आनी अनुच्छेद 34 हांचे अधीनतायेन संसदेन केल्ल्या कायद्या वरवीं ज्यो बाबी उपबंधीत करूं येतात तातूंतल्या खंयच्या संबंदांत; आनी

(ii) ह्या भागा खाला जीं कृत्यां गुन्यांव म्हूण घोशीत केल्लीं आसात तांचे खातीर ख्यास्त विहीत करचे पासत,

कायदो करपाचो अधिकार संसदेक आसतलो, राज्यांच्या विधीमंडळाक आसचो ना; आनी संसद ह्या संविधानाच्या आरंभा उपरांत जाता तितले बेगीन उप-पोटकलम (ii) हातूंत निर्देशिल्ल्या कृत्यां खातीर ख्यास्त विहीत करपा खातीर कायदो करतली;

(ख) पोटकलम (क)चें उप-पोटकलम (i) हातूंत निर्देशिल्ल्या खंयच्याय बाबींच्या संबंदांत ह्या संविधानाच्या प्रारंभ काळाचे निकटपूर्व भारताच्या राज्यक्षेत्रांत लागू आशिल्ले वा त्या पोटकलमाच्या उप-पोटकलम (ii) हातूंत निर्देशिल्ल्या कसल्याय कृत्यां खातीर ख्यास्तीचो उपबंध करपी खंयचोय कायदो, तातूंतल्या अटींचे आनी अनुच्छेद 372 खाला तातूंत जी अनुकुलनां आनी आपरिवर्तनां करतले तांचे अधीनतायेन, संसदे कडल्यान त्या कायद्यांत फेरबदल वा तो निरसीत वा बदल जायसर तो तसोच लागू उरतलो.

*फोडणिशी.*—ह्या अनुच्छेदांत "लागू आशिल्लो कायदो" ह्या उतरांक अनुच्छेद 372त आशिल्लोच अर्थ आसा.

# भाग IV
# राष्ट्र धोरणाचीं निदेशक तत्वां

**36. व्याख्या.**—ह्या भागांत हरशीं गरजेचें नासत जाल्यार "राष्ट्र" ह्या उतराक भाग IIIत आशिल्लोच अर्थ आसा.

**37. ह्या भागांत आसपाविल्लीं तत्वां लागू करप.**—ह्या भागांत आसपाविल्ले उपबंध खंयच्याय न्यायालया वरवीं बजावणे योग्य आसचे नात तरी तातूंत घालून दिल्लीं तत्वां देशाच्या अभिशासनांत मुळावीं आसात आनी कायदे करतना हीं तत्वां लागू करप हें राष्ट्राचें कर्तव्य आसतलें.

**38. राष्ट्राचें लोक कल्याण संवर्धना खातीर समाजवेवस्था प्रस्थापीत करप.**—

[1][(1)] जे समाज वेवस्थेंत समाजीक, अर्थीक आनी राजनितीक न्याय हो राष्ट्रीय जिविताच्या सगल्या संस्थांक प्रमाणभूत आसतलो अशी समाजवेवस्था, जाता तितले परिणामकारक रितीन मेळोवन दिवन आनी तिची राखण करून लोक कल्याणाचें संवर्धन करचे खातीर राष्ट्र प्रयत्नशील रावतलें.

[2][(2) राष्ट्र हें फकत व्यक्ती-व्यक्तीं मदींच न्हय, तर विशेशतायेन वेगळ्या-वेगळ्या वाठारांनी रावपी वा वेगळ्या-वेगळ्या वेवसायांनी कार्यरत आशिल्ल्या लोकसमुहां मदीं लेगीत, येणावळीच्या संबंदांत आशिल्ली असमानताय उण्यांत उण्या पांवड्यार हाडचे खातीर खर यत्न करतलें, आनी दर्जो, सुविधा आनी संदी हांच्या संबंदांत आशिल्ली असमानताय नानपयत करपाक प्रयत्नशील रावतलें.]

**39. राज्यान आपणावपाच्या धोरणाचीं विशिश्ट तत्वां.**—राष्ट्र हें विशेशतायेन, फुडल्यो बाबी साध्य करपाचे दिशेन आपणालें धोरण आंखतलें.

(क) उपजिविकेचीं पुरोशीं साधनां मेळोवपाचो अधिकार, बायलो आनी दादले नागरिकांक समान आसतलो;

(ख) जनसामान्यांच्या हिताक सर्वाधीक उपकारक जायत अशे तरेन समाजाच्या भौतीक संसाधनांचे स्वामित्वाधिकार आनी नियंत्रणाधिकार हांचें वांटप जावचें;

(ग) अर्थीक वेवस्थेच्या कार्यान्वयनान धनदौलत आनी उत्पादन साधनां सर्वसामान्यांक अहीतकारक जायत अशे तरेन केंद्रीभूत जावचीं न्हय;

(घ) दादले आनी बायलां ह्या दोगांकूय समान कामा खातीर समान वेतन मेळचें;

(ङ) दादले आनी बायलां कामगारांची भलायकी आनी शक्त तशेंच भुरग्यांची कंवळी पिराय हांचो दुरुपेग करून घेवचो न्हय आनी नागरिकांक अर्थीक गरजेक लागून तांची पिराय वा शक्त हांकां झेपना असल्या वेवसायांत रिगप सक्तीचें जावचें न्हय;

---

[1] अनुच्छेद 38 हो पोटकलम (1) म्हूण संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 9 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं फेरअंकीकृत केलें.

[2] कित्तो- कलम 9 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[1][(च) भुरग्यांक निरामय रितीन आनी मेकळ्या तशेंच प्रतिश्ठापूर्ण वातावरणांत आपणालो विकास करपा खातीर संदी आनी सोंपेपणां मेळचीं आनी भुरगीं तशेंच तरणाटे हांचे पिळणुके पसून आनी नितीक तशेंच भौतीक गरजांच्या संबंदांत उपेक्षे पसून तांची राखण जावची.]

[2][**39क. समान न्याय आनी कायद्या विशीं निशुल्क आदार.**—राष्ट्र हें कायद्याची वेवस्था चालीक लायतासतना समान संदीच्या आदाराचेर न्यायाचो पुरस्कार जातलो हाची निश्चिती करतलें, आनी, विशेशतायेन, अर्थीक वा हेर असमर्थतायांक लागून कोणाय नागरिकाक न्याय मेळोवपाच्यो संदी नाकारचे नात हाची हमी दिवपा खातीर फावोश्या विधी विधानां वरवीं वा येवजण्यां वरवीं वा हेर खंयच्याय मार्गान कायद्या संबंदींचो निशुल्क आदार मेळोवन दितलें.]

**40. ग्रामपंचायतींचें संघटण.**—राष्ट्र हें ग्रामपंचायतींचें संघटण करपा खातीर पावलां घालतलें आनी तातूंत स्वराज्याचे घटक म्हूण कार्य करपाक तांकां समर्थ करचे खातीर गरजेचे आसतीत अशे अधिकार आनी प्राधिकार दितलें.

**41. कामाचो, शिक्षणाचो आनी विशिश्ट विशयांनी सरकारी पालवाचो अधिकार.**—राष्ट्र हें आपणाली अर्थीक तांक आनी विकास हांच्या शिमां भितर कामाचो आनी शिक्षणाचो हक्क तशेंच बेकारी, म्हातारपण, पिडा आनी दिव्यांगताय हांणी पिडीत, आनी अटळ गरजो आशिल्ल्यांच्या हेर प्रकरणांनी भौशीक पालवाचो हक्क मेळोवन दिवपा खातीर परिणामकारक उपबंध करतले.

**42. कामा संबंदांत न्यायोचीत आनी मनीसपणाची परिस्थिती तशेंच बाळंटेर आदार हांचे उपबंध.**—राष्ट्र हें कामा विशीं न्यायोचीत आनी मनीसपणाची परिस्थिती मेळोवन दिवपा खातीर तशेंच बाळंटेर आदारा खातीर उपबंध करतलें.

**43. कामगारां खातीर निर्वाह वेतन, आदी.**—अनुरूप विधीविधानां वरवीं वा अर्थीक वेवस्था सुसुत्र करून वा हेर कसलेय तरेन सगल्या शेतकी, उद्देगीक वा हेर अशा सगल्या कामगारांक काम, निर्वाह वेतन, समुचीत जिवनमान आनी फुरसतीचो आनी समाजीक तशेंच संस्कृतीक संदींचो पुराय उपभोग हांची हमी दिवपी अशें कामाचें स्वरूप मेळोवन दिवपा खातीर राष्ट्र प्रयत्नशील रावतलें आनी, विशेशतायेन, राष्ट्र ग्रामीण वाठारांनी व्यक्तीगत वा सहकारी तत्वाचेर कुटीर उद्देगांचें संवर्धन करचे पासत प्रयत्नशील रावतलें.

[3][**43क. उद्देगधंद्यांच्या वेवस्थापनांत कामगारांचो सहभाग.**—कसल्याय उद्देगधंद्यांत आसपाविल्ले उपक्रम, आस्थापनां वा हेर संघटणा हांच्या वेवस्थापनांत कामगारांक वांटेकार जावंक मेळचें हे खातीर राष्ट्र अनुरूप विधीविधानां वरवीं वा हेर खंयच्याय मार्गान उपाय येवजण करतलें.]

---

[1] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 7 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं पोटकलम (च) हे सुवातेर घालें.

[2] कित्तो- कलम 8 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[3] कित्तो- कलम 9 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[1][**43ख. सहकारी संस्थांचो प्रसार.**—राष्ट्र हें सहकारी संस्थांची स्वयंसेवी घडण, स्वायत्त कार्यकरण, लोकशायी नियंत्रण आनी वेवसायीक वेवस्थापन हांकां चालना दिवपाचो यत्न करतलें.]

**44. नागरिकां खातीर एकरूप नागरी विधीसंहिता.**—नागरिकांक भारताच्या राज्यक्षेत्रांत सगल्याक एकरूप नागरी विधीसंहिता मेळची हे खातीर राष्ट्र प्रयत्नशील रावतलें.

[2][**45. स वर्सां सकयल्या सान भुरग्यांची जतनाय आनी शिक्षणाची तरतूद.**—सगल्या भुरग्यांक स वर्सांची पिराय पुराय जायसर राष्ट्र तांची सान भुरगेपणांतली जतनाय आनी शिक्षण हांची तरतूद करतलें.]

**46. अनुसुचीत जाती, अनुसुचीत जमाती आनी हेर दुबळे वर्ग हांचें शिक्षणीक आनी अर्थीक हितसंवर्धन.**—राष्ट्र दुबळे जनवर्ग, आनी विशेशतायेन अनुसुचीत जाती, अनुसुचीत जमाती हांचें विशेश जतनायेन शिक्षणीक तशेंच अर्थीक हितसंवर्धन करतलें, आनी समाजीक अन्याय तशेंच सगल्या तरांची पिळणूक हांचे पसून तांची राखण करतलें.

**47. खाणा-जेवणाचो स्तर आनी जिवीत स्तर उंचावप तशेंच भौशीक भलायकी सुदारप हें राष्ट्राचें कर्तव्य.**—आपणाले जनतेचें पोशणमान आनी जिवनमान उंचावप तेच परीं भौशीक भलायकी सुदारप ह्यो बाबी राष्ट्र, आपणाल्या मुळाव्या कर्तव्यां मदल्यो आसात, अशें मानतलें आनी, विशेशतायेन, मादक पेयां आनी भलायकेक अपायकारक अशीं अंमली द्रव्यां हांच्या वखदी प्रयोजनां खेरीज हरशीं सेवन करपाक बंदी हाडून घेवपा खातीर राष्ट्र प्रयत्नशील रावतलें.

**48. शेतकाम आनी पशुसंवर्धन हांची सुसुत्र वेवस्था करप.**—आर्विल्ले आनी शास्त्रीय रितीन शेतकाम आनी पशुसंवर्धन हांची सुसुत्र वेवस्था करचे खातीर राष्ट्र प्रयत्नशील रावतलें आनी, विशेशतायेन, गायो आनी वासरां तशेंच हेर दूद दिवपी, कश्टाच्या कामां खातीरच्या जनावरांच्या प्रजातींचो सांबाळ आनी संवर्धन करूंक पावलां उबारतलें आनी त्यो सुदारपाक आनी तांचे कत्तलीचेर बंदी हाडपा खातीर उपाय-येवजण करतलें.

[3][**48क. पर्यावरणाची राखण तशेंच सुदारप आनी रानां तशेंच रानवटी प्राण्यांच्या जिविताची राखण.**—राष्ट्र, देशाचें पर्यावरण राखून दवरचे खातीर आनी तें सुदारचे खातीर तशेंच रानां आनी रानवटी जीव हांच्या सांबाळा खातीर, प्रयत्नशील रावतलें.]

---

[1] संविधान (सत्याण्णवावो बदल) अधिनेम, 2011, कलम 3 (15-2-2012 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[2] संविधान (शांयश्यांवो बदल) अधिनेम, 2002, कलम 3 (1-4-2010 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 45 हे सुवातेर घालें.

[3] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम,1976, कलम 10 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

**49. राष्ट्रीय म्हत्वाचीं यादस्तिकां आनी थळां तशेंच राष्ट्रीय म्हत्वाच्यो वस्तू हांची राखण.**—[1][संसदेन केल्ल्या कायद्या वरवीं वा ताचे खाला] राष्ट्रीय म्हत्वाचीं म्हूण घोशीत जाल्लीं, कलेचे नदरेन वा इतिहासाचे नदरेन उत्सूकतायेचो विशय जाल्लें दर एक यादस्तीक वा थळ वा वस्तू हाचें त्या-त्या जशें आसत तशें हेतूपुर्वक नाशाडी, विद्रुपीकरण, नाश, निखळावणी, विलो वा निर्यात हांचे पसून सांबाळ करप हें राष्ट्राचें कर्तव्य आसतलें.

**50. कार्यपालिकेची न्यायपालिके पसून फारकत.**—राष्ट्राच्या लोकसेवांतले कार्यपालिकेची न्यायपालिके पसून फारकत करचे खातीर राष्ट्र उपाय-येवजण करतलें.

**51. आंतरराष्ट्रीय शांतताय आनी सुरक्षा हांचें संवर्धन.**—राष्ट्र—

(क) आंतरराष्ट्रीय शांतताय आनी सुरक्षा हांचें संवर्धन करपा खातीर;

(ख) राष्ट्रा राष्ट्रां मदीं न्यायोचीत आनी सन्मान्य संबंद राखचे खातीर;

(ग) संघटीत जनसमाजांच्या आपसांतल्या वेव्हारांनी आंतरराष्ट्रीय कायदो आनी कबलातींचीं बंधनां हांचे विशीं आदरभावना वाडोवपा खातीर; आनी

(घ) आंतरराष्ट्रीय तंटे मिटोवपा खातीर लवादां वरवीं प्रोत्साहन दिवचे पासत;

प्रयत्नशील रावतलें.

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 27 (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "संसदेन कायद्यान घोशीत" हे सुवातेर घालें.

# [1][भाग IVक
# मुळावीं कर्तव्यां

**51क. मुळावीं कर्तव्यां.**—

(क) संविधानाक पाळो दिवप आनी तातूंतले आदर्श आनी संस्था, राष्ट्रध्वज तशेंच राष्ट्रगीत हांचो आदर करप;

(ख) जांचे कडल्यान आमच्या राष्ट्रीय स्वातंत्र्य झुजाक प्रेरणा मेळ्ळी त्या उदात्त आदर्शांची जोपासना करून तांचें अनुसरण करप;

(ग) भारताची सार्वभौमताय, एकताय आनी एकात्मताय उन्नत राखप आनी तांचो सांबाळ करप;

(घ) आवाहन जातलें त्या वेळार देशाची राखण करप आनी राष्ट्राक सेवा अर्पण करप;

(ङ) धर्मीक, भाशीक आनी प्रदेशीक वा वर्गीय भेदांच्या पेल्यान वचून अखील भारतीय जनतेंत एकवट आनी भावकी वाडीक लावप; बायलांचे प्रतिश्ठेक उणेपण हाडपी प्रथा सोडून दिवप;

(च) आमचे संमिश्र संस्कृतायेच्या दायजाचें मोल जाणून ताचें जतन करप;

(छ) रानां, तळीं, न्हंयो आनी वन्य जिवसृश्ट तशेंच सैमीक पर्यावरणाची राखण करून तातूंत सुदारणा हाडप आनी सजीव प्राण्यां विशीं दयाभाव बाळगप;

(ज) विज्ञानीक दृश्टीकोन, मानवतावाद आनी शोधकबुद्द तशेंच सुदारणावाद हांचो विकास करप;

(झ) भौशीक संपत्तीची राखण करप आनी हिंसाचाराचो निग्रहान त्याग करप;

(ञ) राष्ट्र सतत उपक्रम आनी सिद्धी हांच्यो चडट्यो श्रेणी गांठीत वचत अशे तरेन सगल्या व्यक्तीगत तशेंच समुदायीक कार्यांत निरंतर येस संपादन करपाक झटप;

[2][(ट) आवयबापायन वा पालकान स ते चवदा वर्सां मदल्या आपल्या भुरग्याक वा पाल्याक, जशें आसत तशें, शिक्षणाच्यो संदी दिवप.]

हें दर एका भारतीय नागरिकाचें कर्तव्य आसतलें.]

---

[1] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 11 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[2] संविधान (शांयश्यांवो बदल) अधिनेम, 2002, कलम 4 (1-4-2010 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

# भाग V

# संघराज्य

## प्रकरण I.—कार्यपालिका

*राष्ट्रपती आनी उप-राष्ट्रपती*

**52. भारताचो राष्ट्रपती.**—भारताक एक राष्ट्रपती आसतलो.

**53. संघराज्याचो कार्यपालिका अधिकार.**—(1) संघराज्याचो कार्यपालिका अधिकार राष्ट्रपतीचे ठांय निहीत आसतलो आनी ताचे कडल्यान प्रत्यक्षपणान वा ताच्या हाता खालच्या अधिकाऱ्यां वरवीं ह्या संविधाना प्रमाणें ताचो वापर जातलो.

(2) पुर्वगामी उपबंधाचे व्यापकतायेक बाधा येनासतना संघराज्याच्या राखणे दळांचें आधिपत्य राष्ट्रपतीचे ठांय निहीत आसतलें आनी त्या आधिपत्याचो वापर कायद्या वरवीं विनियमीत करतलें.

(3) ह्या अनुच्छेदांतले खंयचेच बाबीक लागून—

(क) खंयच्याय विद्यमान कायद्या वरवीं खंयच्याय राज्याच्या सरकाराक वा हेर प्राधिकरणाक प्रदान केल्ले कसलेच कार्याधिकार राष्ट्रपती कडेन हस्तांतरीत जातात अशें मानचे नात; वा

(ख) राष्ट्रपती भायर हेर प्राधिकरणाक कायद्या वरवीं कार्याधिकार प्रदान करपाक संसदेक प्रतिबंध जावचो ना.

**54. राष्ट्रपतीची वेंचणूक.**—राष्ट्रपतीची वेंचणूक एका वेंचणूक मांडा कडल्यान जातली जाचे वांगडी आसतले—

(क) संसदेच्या दोनूय घरांचे वेंचून आयिल्ले वांगडी; आनी

(ख) राज्यांच्या विधानसभांचे वेंचून आयिल्ले वांगडी.

[1][ *फोडणिशी.*—ह्या अनुच्छेदांत आनी अनुच्छेद 55 हातूंत, "राज्य" ह्या उतरांत राष्ट्रीय राजधानी राज्यक्षेत्र दिल्ली आनी *पुदुच्चेरी ह्या केंद्रशासीत प्रदेशांचो आसपाव आसा.]

**55. राष्ट्रपतीचे वेंचणुकेची रीत.**—(1) राष्ट्रपतीचे वेंचणुकेंत, वेव्हार्य आसत ते मेरेन, समसमान प्रतिनिधित्व आसतलें.

(2) राज्या राज्यां मदीं परस्परांत अशी समानताय, तशेंच सगलीं राज्यां मेळून आनी संघराज्य हांची समतुल्यताय सादचे खातीर संसदेचो आनी दर एका राज्याचे विधानसभेचो वेंचून आयिल्लो दर एक वांगडी अशे वेंचणुकेंत जितलीं मतां दिवपाक हकदार आसत तांची संख्या फुडले रितीन थारायतले:—

(क) राज्याचे विधानसभेच्या वेंचून आयिल्ल्या दर एका वांगड्याक, त्या राज्याचे लोकसंख्येक ते विधानसभेच्या वेंचून आयिल्ल्या वांगड्यांचे वट्ट संख्येन भागलें जाल्यार येवपी भागाकारांत एका हजाराच्या जितल्या पटींनी आसतलीं तितलीं मतां आसतलीं;

---

[1] संविधान (सत्तरावो बदल) अधिनेम, 1992, कलम 2 (1-6-1995 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

* पुदुच्चेरी (नांवांत फेरबदल) अधिनेम, 2006 (2006चो 44वो), कलम 3 (1-10-2006 हे तारखे सावन लागू) वरवीं आतां पाँडिचॅरी अशें नांव आसा.

(ख) एका हजाराची वयली पटी हिशबाक धरल्या उपरांतची उरिल्ली संख्या पांचश्यां परस उणी नासल्यार उप-पोटकलम (क)त निर्देशिल्ल्या दर एका वांगड्याच्या मतांनी आनीक एका मताची वाड करतले;

(ग) संसदेच्या खंयच्याय सभाघरांतल्या वेंचून आयिल्ल्या दर एका वांगड्याक, उप-पोटकलम (क) आनी (ख) खाला राज्यांच्या विधानसभांच्या वांगड्यांक नेमून दिल्ल्या मतांचे वट्ट संख्येक संसदेच्या दोनूय सभाघरांतल्या वेंचून आयिल्ल्या वांगड्यांचे वट्ट संख्येन भागलें जाल्यार जी संख्या येतली तितलीं मतां आसतलीं, अर्दा परस चड आशिल्ले अपुर्णांक हे पुर्णांक म्हूण मेजतले आनी हेर अपुर्णांकां कडेन दुर्लक्ष करतले.

(3) राष्ट्रपतीची वेंचणूक प्रमाणशीर प्रतिनिधित्व पद्धती प्रमाणें एकल संक्रमणीय मता वरवीं घेतले आनी अशे वेंचणुकेंतलें मतदान गुप्त मतदान पद्दतीन जातलें.

[1][*फोडणिशी.*—ह्या अनुच्छेदांत "लोकसंख्या" हाचो अर्थ, जे जनगणनेची संबद्ध आंकडेवारी उजवाडा आयल्या अशें निकटपूर्व जनगणनेंत अदमाशिल्ली लोकसंख्या असो आसा:

ताका शर्त अशी कीं, हे *फोडणिशेंतली* जे जनगणनेची संबद्ध आंकडेवारी उजवाडा आयल्या अशी निकटपूर्व जनगणना ह्या उल्लेखाचो अर्थ, वर्स [2][2026] उपरांत जावपा आशिल्ले पयले जनगणनेची संबद्ध आंकडेवारी उजवाडा येत मेरेन 1971 वर्साचे जनगणनेचो उल्लेख म्हूण लायतले.]

**56. राष्ट्रपतीचो पदावधी.**—(1) राष्ट्रपती, जे तारखेक आपणालें अधिकारपद ग्रहण करतलो ते तारखे सावन पांच वर्सांच्या काळा मेरेन तें अधिकारपद धारण करतलो:

ताका शर्त अशी कीं,

(क) उप-राष्ट्रपतीक लेखून स्वाक्षरीन बरपा वरवीं राष्ट्रपतीच्यान आपणाल्या अधिकारपदाचो राजिनामो दिवं येता;

(ख) राष्ट्रपतीक, ताणें संविधानाचो भंग केलो जाल्यार 61व्या अनुच्छेदांत उपबंध केल्या ते सकयल दिल्ले पद्दतीन महाभियोगा वरवीं पदा वयल्यान काडूं येता;

(ग) राष्ट्रपती, ताचो पदावधी सोंपलो तरीय, ताचो उत्तराधिकारी स्वताचें अधिकारपद ग्रहण करीसर पद धारण चालू दवरतलो.

(2) उप-राष्ट्रपती, पोटकलम (1)च्या परंतुकाच्या पोटकलम (क) खाला ताका लेखून बरयिल्ल्या खंयच्याय राजिनाम्याची खबर लोकसभेच्या अध्यक्षाक तत्काळ कळयतलो.

---

[1] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 12 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं *फोडणिशेचे* सुवातेर घालें.

[2] संविधान (चवद्यांयश्यांवो बदल) अधिनेम, 2001, कलम 2 (21-2-2002 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "2000" हे सुवातेर घालें.

**57. फेरवेंचणुकेक पात्रताय.**—जी व्यक्ती राष्ट्रपती म्हूण अधिकारपद धारण करता वा जिणें अशें अधिकारपद धारण केलां ती, ह्या संविधानाच्या हेर उपबंधांचे अधीनतायेन त्या अधिकारपदा खातीर जावपी फेरवेंचणुकांक पात्र आसतली.

**58. राष्ट्रपतीपदाचे वेंचणुके खातीर पात्रताय.**—(1) कोणूय व्यक्ती—

(क) ती भारताचो नागरीक आसा,

(ख) तिचे पिरायेक पस्तीस वर्सां पूर्ण जाल्यांत, आनी

(ग) लोकसभेचो वांगडी म्हूण वेंचून येवपाक ती पात्र आसा, अशें आसले बगर राष्ट्रपतीपदाचे वेंचणुकेक पात्र आसची ना.

(2) कोणूय व्यक्ती भारत सरकाराचे वा खंयच्याय राज्य सरकाराचे अखत्यारे खाला वा वयर दिल्ल्या सरकारां मदल्या खंयच्याय नियंत्रणा खाला आशिल्ल्या खंयच्याय थळाव्या वा हेर प्राधिकरणाचे अखत्यारे खालचें कसलेंय लाभपद धारण करता आसत जाल्यार ती राष्ट्रपतीपदाचे वेंचणुकेक पात्र आसची ना.

*फोडणिशी*—ह्या अनुच्छेदांच्या प्रयोजना खातीर, फकत कोणूय व्यक्ती ही संघराज्याचो राष्ट्रपती वा खंयच्याय राज्याचो राज्यपाल [1]*** आसा वा संघराज्याचो वा खंयच्याय राज्याचो मंत्री आसा इतल्याच कारणा वयल्यान ती कसलेंय लाभपद धारण करता अशें मानचे नात.

**59. राष्ट्रपतीपदाच्यो अटी.**—(1) राष्ट्रपती संसदेच्या खंयच्याय सभाघराचो वा खंयच्याय राज्याच्या विधीमंडळाच्या खंयच्याय सभाघराचो वांगडी आसचो ना, आनी संसदेच्या खंयच्याय सभाघराचो वा खंयच्याय राज्याच्या विधीमंडळाच्या सभाघराचो वांगडी राष्ट्रपती म्हूण वेंचून आयलो जाल्यार, तो राष्ट्रपती म्हूण आपणालें अधिकारपद ग्रहण करतलो ते तारखेक ताणें त्या सभाघरांतली आपणाली सुवात रिती केली अशें मानतले.

(2) राष्ट्रपती हेर खंयचेंच लाभपद धारण करचो ना.

(3) राष्ट्रपती आपणाल्या अधिकृत निवासस्थानाचें भाडें दिल्या बगर वापर करपाक हकदार आसतलो आनी संसद कायद्या वरवीं थारायतली अशे परिलाभ, भत्ते आनी विशेशाधिकार हांकांय हकदार आसतलो आनी ते संबंदांत हाचे प्रमाणें उपबंध करून जायसर, दुसरे अनुसुचींत विनिर्दिश्ट केल्ले अशे परिलाभ, भत्ते आनी विशेशाधिकार हांकां तो हकदार आसतलो.

(4) राष्ट्रपतीचे परिलाभ आनी भत्ते ताच्या पदावधींत उणे करचे नात.

**60. राष्ट्रपती कडल्यान सोपूत आनी दृढकथन.**—राष्ट्रपतीचो पदभार सांबाळपी वा राष्ट्रपतीचीं कार्यां निभावपी दर एक व्यक्ती, आपणालें अधिकारपद ग्रहण करचे पयलीं, भारताच्या मुख्य न्यायाधिशा मुखार, वा तो गैरहाजीर आसल्यार, सर्वोच्च न्यायालयाचो जो जेश्ठतम न्यायाधीश मेळटा आसत जाल्यार ताचे मुखार फुडल्या नमुन्या प्रमाणें सोपूत घेवन वा दृढकथन करून ताचे खाला निशाणी करतलो. तें म्हणल्यार अशें—

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "वा राजप्रमूख वा उप-राजप्रमूख" हीं उतरां काडलीं.

"हांव, क.ख., $\frac{\text{देवाचे साक्षीन सोपूत घेतां}}{\text{गंभीरसाणीन दृढकथन करतां}}$ कीं, हांव भारताचो/ची राष्ट्रपती म्हूण म्हजें पदकार्य निशठापुर्वक निभायतलों/लीं (वा हांव भारताच्या राष्ट्रपतीचीं कार्यां निशठापुर्वक निभायतलों/लें) आनी म्हज्या सामर्थ्याची पराकाश्ठा करून संविधान आनी कायदो हांचो सांबाळ, राखण आनी बचाव करतलों/लीं) आनी स्वताक भारतीय जनतेचे सेवेक आनी कल्याणाक ओंपून घेतलों/लीं."

**61. राष्ट्रपती वयल्या महाभियोगाची कार्यपद्दत.**—(1) संविधानाचो भंग केल्ले खातीर राष्ट्रपतीचेर महाभियोग करपाचो आसल्यार, तेन्ना, ते संबंदींचो आरोप संसदेच्या खंयच्याय एका सभाघरा कडल्यान फुडें हाडटले.

(2) असो कसलोच आरोप ते मेरेन करचे नात जे मेरेन—

(क) असो आरोप मांडपाचो प्रस्ताव खंयच्याय थारावांत आसपावीत केल्लो आसतलो, आनी तो थाराव मांडपाचो आपणालो उद्देश आसा हें त्या सभाघरांतले वट्ट वांगडी संख्येच्या उण्याच त्या एक-चतुर्थांश वांगड्यांनी स्वाक्षरीत केल्ली उण्याच त्या चवदा दिसांची लेखी कळोवणी दिवन जाले उपरांत तो मांडला, आनी

(ख) असो थाराव त्या सभाघराचे वट्ट वांगडी संख्येच्या उण्याच त्या दोन-तृतियांश वांगड्यांच्या भोवमतान पास जाला अशें जाले बगर असो कसलोच आरोप फुडें हाडचे नात.

(3) संसदेच्या खंयच्याय सभाघरान हे प्रमाणें आरोप फुडें हाडटकूच दुसरें सभाघर त्या आरोपाचो सोद तपास करतलें वा करून घेतलें आनी राष्ट्रपतीक अशा सोद तपासाच्या वेळार हाजीर रावपाचो आनी प्रतिनिधी वरवीं आपणाली बाजू मांडपाचो अधिकार आसतलो.

(4) जर सोद तपासा उपरांत, राष्ट्रपती आड फुडें हाडिल्लो आरोप सिद्ध जाला अशें घोशीत करपी थाराव ज्या सभाघरान आरोपाचो सोद तपास केलो वा करून घेतलो त्या सभाघराचे वट्ट वांगडी संख्येच्या उण्याच त्या दोन-तृतियांश वांगड्यांच्या भोवमतान पास जालो जाल्यार अशा थारावाचो परिणाम म्हूण राष्ट्रपतीक तो थाराव हे प्रमाणें पास जाल्ल्याचे तारखेक आपणाल्या अधिकारपदा वयल्यान कडेक सरचें पडटलें.

**62. राष्ट्रपतीचें रितें अधिकारपद भरपा खातीर वेंचणूक घेवपाची मुजत आनी आकस्मीकपणान रितें जाल्लें अधिकारपद भरपा खातीर वेंचून आयिल्ले व्यक्तीचो पदावधी.**—(1) राष्ट्रपतीपदाचो पदावधी सोंपिल्ल्यान रितें जावपी अधिकारपद भरपा खातीर वेंचणूक घेवपाची आसतली तेन्ना तो अवधी सोंपचे पयलीं ती वेंचणूक पूर्ण करतले.

(2) राष्ट्रपतीक जरी मरण आयलें, ताणें राजिनामो दिलो वा ताका कडेक काडलो ह्या कारणा वयल्यान वा हेर भशेन रितें जाल्लें ताचें अधिकारपद भरपा खातीर जावपाची वेंचणूक तें अधिकारपद रितें जाल्ल्याचे तारखे उपरांत जाता तितले बेगीन घेतले. खंयचेच परिस्थितींत ते तारखे सावन स म्हयन्यां उपरांत ना; आनी रितें अधिकारपद भरपा खातीर वेंचून आयिल्ली व्यक्ती, आपणालें अधिकारपद ग्रहण करतली, त्या दिसाच्यान पांच वर्सांच्या पुराय अवधी मेरेन अनुच्छेद 56च्या उपबंधाचे अधीनतायेन, अधिकारपद धारण करपाक हकदार आसतली.

**63. भारताचो उप-राष्ट्रपती.**—भारताक एक उप-राष्ट्रपती आसतलो.

**64. उप-राष्ट्रपती राज्यसभेचो पदसिद्ध सभापती आसप.**—उप-राष्ट्रपती हो राज्यसभेचो पदसिद्ध सभापती आसतलो आनी तो हेर खंयचेंच लाभपद धारण करचो ना:

ताका शर्त अशी कीं, उप-राष्ट्रपती जेन्ना अनुच्छेद 65 खाला राष्ट्रपती म्हूण कार्य करतलो वा राष्ट्रपतीचीं कार्यां निभायतलो तेन्ना, अशे खंयचेय अवधींत तो राज्यसभेच्या सभापतीपदाचीं कर्तव्यां करचो ना आनी राज्यसभेच्या सभापतीक अनुच्छेद 97 खाला प्रदेय आशिल्लें कसलेंच वेतन वा भत्तो मेळपाक हकदार आसचो ना.

**65. राष्ट्रपतीचें अधिकारपद आकस्मीकपणान रितें जायत त्या-त्या प्रसंगार उप-राष्ट्रपतीन राष्ट्रपती म्हूण कार्य करप वा राष्ट्रपतीचे गैरहाजिरेंत ताचीं कार्यां निभावप.**—(1) राष्ट्रपतीक जर मरण आयलें, ताणें राजिनामो दिलो वा ताका कडेक काडलो ह्या कारणा वयल्यान वा हेर भशेन ताचें पद केन्नाय रितें जायत जाल्यार अशें रितें अधिकारपद भरपा संबंदांत ह्या प्रकरणांत आशिल्ल्या उपबंधा प्रमाणें वेंचून आयिल्लो नवो राष्ट्रपती आपणालें अधिकारपद ग्रहण करतलो ते तारखे मेरेन उप-राष्ट्रपती हो राष्ट्रपती म्हूण कार्य करतलो.

(2) जेन्ना गैरहाजिरी, पिडा वा हेर खंयचेंय कारण हांकां लागून राष्ट्रपती आपणालीं कार्यां निभावपाक असमर्थ आसत तेन्ना, राष्ट्रपती आपणाल्या कामाचेर परतून रुजू जातलो ते तारखे मेरेन उप-राष्ट्रपती ताचीं कार्यां निभायतलो.

(3) उप-राष्ट्रपती जेन्ना अशे तरेन राष्ट्रपती म्हूण कार्य करता आसत वा ताचीं कार्यां निभायता आसत ते अवधींत आनी ते अवधी संबंदांत ताका राष्ट्रपतीचे सगले अधिकार आनी उन्मुक्त्यो आसतल्यो आनी संसद कायद्या वरवीं निर्धारीत करीत अशे परिलाभ, भत्ते आनी विशेशाधिकार आनी ते संबंदांत हे प्रमाणें उपबंध करीसर, दुसरे अनुसुचींत विनिर्दिश्ट केल्ले प्रमाणें परिलाभ, भत्ते आनी विशेशाधिकार हांकां तो हकदार आसतलो.

**66. उप-राष्ट्रपतीची वेंचणूक.**—(1) उप-राष्ट्रपती प्रमाणशीर प्रतिनिधित्व पद्धती प्रमाणें एकल संक्रमणीय मता वरवीं [1][एका वेंचणूक मांडाच्या वांगड्यां कडल्यान वेंचून काडटले आनी तो वेंचणूक मांड संसदेच्या दोनूय सभाघरांचे वांगडी मेळून जाल्लो आसतलो] आनी अशे वेंचणुकेंतलें मतदान गुप्त मतदान पद्धतीन जातलें.

(2) उप-राष्ट्रपती संसदेच्या खंयच्याच सभाघराचो वा खंयच्याय राज्याच्या विधीमंडळाच्या सभाघराचो वांगडी आसचो ना, आनी संसदेच्या खंयच्याय सभाघराचो वा खंयच्याय राज्याच्या विधीमंडळाच्या सभाघराचो वांगडी उप-राष्ट्रपती म्हूण वेंचून आयलो जाल्यार तो उप-राष्ट्रपती म्हूण आपणालें अधिकारपद ग्रहण करतलो ते तारखेक ताणें त्या सभाघरांतली आपणाली सुवात रिती केल्ली आसा अशें मानतले.

(3) कोणूय व्यक्ती—

(क) ती भारताची नागरीक आसा;

(ख) तिचे पिरायेक पस्तीस वर्सां पूर्ण जाल्यांत; आनी

---

[1] संविधान (इकरावो बदल) अधिनेम, 1961, कलम 2 (19-12-1961 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "संसदेच्या दोनूय सभाघरांचे वांगडी संयुक्त बसकेंत जमिल्ले" हे सुवातेर घालें.

(ग) राज्यसभेचो वांगडी म्हूण वेंचून येवपाक ती पात्र आसा, अशें आसले बगर उप-राष्ट्रपतीपदाचे वेंचणुकेक पात्र आसची ना.

(4) कोणूय व्यक्ती भारत सरकाराचे वा खंयच्याय राज्य शासनाचे अखत्यारे खालचें कसलेंय लाभपद धारण करता आसत जाल्यार ती उप-राष्ट्रपतीपदाचे वेंचणुकेक पात्र आसची ना.

*फोडणिशी*—ह्या अनुच्छेदांच्या प्रयोजना खातीर फकत कोणूय व्यक्ती ही संघराज्याचो राष्ट्रपती वा उप-राष्ट्रपती वा खंयच्याय राज्याचो राज्यपाल [1]*** आसा वा संघराज्याचो वा खंयच्याय राज्याचो मंत्री आसा इतल्याच कारणा वयल्यान ती कसलेंय लाभपद धारण करता अशें मानचे नात.

**67. उप-राष्ट्रपतीचो पदावधी.**—उप-राष्ट्रपती, जे तारखेक आपणालें अधिकारपद ग्रहण करतलो ते तारखेच्यान पांच वर्सांच्या काळा मेरेन तें अधिकारपद धारण करतलो.

ताका शर्त अशी कीं,—

(क) राष्ट्रपतीक लेखून बरयिल्ल्या स्वाक्षरीत बरपा वरवीं उप-राष्ट्रपतीच्यान आपणाल्या अधिकारपदाचो राजिनामो दिवं येता;

(ख) राज्यसभेच्या त्या वेळच्या सगल्या वांगड्यांक भोवमतान पास जाल्ल्या आनी लोकसभेंत संमत केल्ल्या थारावा वरवीं उप-राष्ट्रपतीक ताच्या अधिकारपदा वयल्यान कडेक काडूं येता; पूण ह्या अनुच्छेदांच्या प्रयोजना खातीर खंयचोय थाराव मांडपाचो उद्देश आसा अशी उण्याच त्या चवदा दिसांची कळोवणी दिले बगर तो मांडचे नात;

(ग) उप-राष्ट्रपती, ताचो पदावधी सोंपलो तरीय ताचो उत्तराधिकारी स्वताचें अधिकारपद ग्रहण करीत मेरेन पदधारण चालू दवरतलो.

**68. उप-राष्ट्रपतीचें रितें अधिकारपद भरपा खातीर वेंचणूक घेवपाची मुजत आनी आकस्मीकपणान रितें जाल्लें अधिकारपद भरपा खातीर वेंचून आयिल्ले व्यक्तीचो पदावधी.**—(1) उप-राष्ट्रपती पदाचो पदावधी सोंपिल्ल्यान रितें जावपी अधिकारपद भरपा खातीर घेवपाची वेंचणूक तो अवधी सोंपचे पयलीं पूर्ण करतले.

(2) उप-राष्ट्रपतीक जरी मरण आयलें, ताणें राजिनामो दिलो वा ताका कडेक काडलो ह्या कारणांक लागून वा हेर तरेन रितें जाल्लें ताचें अधिकारपद भरपा खातीर घेवपाची वेंचणूक तें अधिकारपद रितें जाल्याचे तारखे उपरांत जाता तितले बेगीन घेतले आनी रितें अधिराकपद भरपा खातीर वेंचून आयिल्ली व्यक्ती आपणालें अधिकारपद ग्रहण करतली त्या दिसा सावन पांच वर्सांचो अवधी पूर्ण जायत मेरेन, अनुच्छेद 67च्या उपबंधाचे अधीनतायेन अधिकारपद धारण करपाक हकदार आसतली.

**69. उप-राष्ट्रपतीचें सोपूत घेवप वा दृढकथन करप.**—दर एक उप-राष्ट्रपती आपणालें अधिकारपद ग्रहण करचे पयलीं राष्ट्रपतीच्या वा ताणें ते संबंदांत नियुक्त केल्ले खंयचेय व्यक्ती मुखार

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "वा राजप्रमूख वा उप-राजप्रमूख" हीं उतरां काडलीं.

फुडल्या नमुन्या प्रमाणें सोपूत घेवन वा द्ढकथन करून ताचे खाला निशाणी करतलो. तें म्हणल्यार अशें—

"हांव, क.ख., $\frac{\text{देवाचे साक्षीन सोपूत घेतां}}{\text{गंभीरसाणीन द्ढकथन करतां}}$ कीं, हांव कायद्या वरवीं प्रस्थापीत जाल्ल्या भारताच्या संविधाना विशीं खरेली श्रद्धा आनी निश्ठा बाळगितलों/लीं/लें आनी आतां जें कर्तव्य हांव आपणायतलों/लीं/लें तें हांव निश्ठापूर्वक निभायतलों/लीं/लें."

**70. हेर आकस्मीक प्रसंगा वेळार राष्ट्रपतीचीं कार्यां निभावप.**—ह्या प्रकरणांत जाचे खातीर उपबंध केल्लो ना अशा खंयच्याय आकस्मीक प्रसंगा वेळार राष्ट्रपतीचीं कार्यां निभावपा खातीर संसदेच्यान स्वताक योग्य दिसत असो उपबंध करूं येता.

[1][**71. राष्ट्रपती वा उप-राष्ट्रपती हांचे वेंचणुके संबंदींच्यो वा ताचे कडेन संबंदीत आशिल्ल्यो बाबी.**—(1) राष्ट्रपती वा उप-राष्ट्रपती हांचे वेंचणुकेंतल्यान उप्रासपी सगले दुबावाचे मुद्दे आनी तंटे हांची चवकशी आनी निर्णय सर्वोच्च न्यायालया कडल्यान करतले आनी ताचो निर्णय निमाणो आसतलो.

(2) जर खंयचेय व्यक्तीची राष्ट्रपती वा उप-राष्ट्रपती म्हूण जाल्ली वेंचणूक सर्वोच्च न्यायालयान शून्य म्हूण घोशीत केली जाल्यार, तिणें सर्वोच्च न्यायालयाच्या निर्णयाचे तारखेक वा ते आदीं राष्ट्रपतीच्या वा जशें आसत तशें, उप-राष्ट्रपतीच्या अधिकारपदाचो अधिकार वापरतना आनी कर्तव्य निभायतना केल्ल्यो कृती ते घोशणेक लागून बेकायदेशीर थारच्यो नात.

(3) ह्या संविधानाच्या उपबंधाचे अधीनतायेन, संसदेच्यान राष्ट्रपतीचे वा उप-राष्ट्रपतीचे वेंचणुके संबंदींचें वा तिचे कडेन संबंदीत आशिल्ले खंयचेय बाबींचें कायद्या वरवीं विनेमन करूं येता.

(4) खंयचेय व्यक्तीची राष्ट्रपती वा उप-राष्ट्रपती म्हूण जाल्ली वेंचणूक तिका वेंचून दिवपी वेंचणूक मंडळाच्या वांगडी वर्गा मदीं खंयच्याय कारणाक लागून कसलीय सुवात रिती आशिल्ली ह्या कारणा वयल्यान प्रस्नास्पद करूंक मेळची ना.]

**72. विशिश्ट प्रकरणांनी माफी बी करपाचो आनी शिक्षादेश निलंबीत करपाचो, तातूंत सूट दिवपाचो वा तें सौम्य करपाचो राष्ट्रपतीचो अधिकार.**—(1) कसल्याय गुन्यांवां खातीर अपराधी थारायिल्ले कोणेय व्यक्तीक—

(क) ख्यास्त वा शिक्षादेश लश्करी न्यायालयान दिल्लो आसा अश्या सगल्या प्रकरणांनी;

[1] संविधान (एकोणचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1975, कलम 2 (10-8-1975 हे तारखे सावन लागू) वरवीं घालें आनी उपरांत संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 10 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं घालें.

(ख) ख्यास्त वा शिक्षादेश संघराज्याचे शासनशक्तीचे व्याप्तेंतले कसलेय बाबी कडेन संबंदीत आशिल्ल्या खंयच्याय कायद्या आड केल्ल्या गुन्यांवां खातीर दिल्लो आसा अश्या सगल्या प्रकरणांनी;

(ग) शिक्षादेश हो मृत्युदंडादेश आसा अश्या सगल्या प्रकरणांनी,

ख्यास्तीची माफी दिवपाचो, शिक्षा-तहकुबी दिवपाचो, तातूंत विश्राम वा सूट दिवपाचो वा शिक्षादेश निलंबीत करपाचो, तातूंत सूट दिवपाचो वा तो सौम्य करपाचो राष्ट्रपतीक अधिकार आसतलो.

(2) संघराज्याच्या सेनादळांच्या खंयच्याय अधिकाऱ्यांक, लश्करी न्यायालयान फर्मायिल्लो मृत्युदंडादेश निलंबीत करपाचो, सौम्य करपाचो वा उणो करपाचो जो अधिकार दिल्लो आसा ताचेर पोटकलम (1)च्या उप-पोटकलम (क) हातूंतले खंयचेच बाबींचो परिणाम जावचो ना.

(3) त्या-त्या काळांत विद्यमान आशिल्या खंयच्याय कायद्या खाला मृत्युदंडादेश निलंबीत करपा खातीर वा तो सौम्य करपा खातीर राज्याच्या राज्यपालाक [1]*** जो वापरूंक मेळपा असलो आसतलो त्या अधिकाराचेर पोटकलम (1)चें उप-पोटकलम (क) हातूंतले खंयचेच बाबींचो परिणाम जावचो ना.

**73. संघराज्याच्या शासनाधिकाराची व्याप्ती.**—(1) ह्या संविधानाच्या उपबंधांचे अधीनतायेन, संघराज्याच्या शासनाधिकाराचे व्याप्तेंत—

(क) जांचे संबंदांत संसदेक कायदे करपाचो अधिकार आसा त्यो बाबी; आनी

(ख) खंयचेय कबलातीच्या वा कराराच्या अन्वयान भारत सरकाराच्यान वापरू येतात अशे अधिकार, प्राधिकार आनी अधिकारिताय हांचो वापर, हीं आसपावीत आसतलीं;

ताका शर्त अशी कीं, ह्या संविधानांत वा संसदेन केल्ल्या खंयच्याय कायद्यांत स्पश्टपणान उपबंधीत केल्ले आसत तितलें सोडून हेर बाबींनी, उप-पोटकलम (क)त निर्देशिल्ल्या शासनाधिकाराचे व्याप्तेंत [2]*** खंयच्याय राज्यांत, जांचे संबंदांत राज्याच्या विधीमंडळाकूय कायदे करपाचो अधिकार आसा अश्यो बाबी येवच्यो नात.

(2) संसदे कडल्यान हेर भशेन उपबंध करून जायसर, जांच्या संबंदांत संसदेक खंयच्याय राज्या खातीर कायदे करपाचो अधिकार आसा अश्या बाबींनी ह्या संविधानाचे निकटपूर्व तें राज्य वा त्या राज्याचो खंयचोय अधिकारी वा प्राधिकरण हांच्यांनी जो शासनाधिकार वा जे कार्याधिकार वापरू येताले त्या अधिकारांचो वा कार्याधिकारांचो वापर त्या राज्याच्यान आनी त्या अधिकाऱ्याच्यान वा प्राधिकरणाच्यान, ह्या अनुच्छेदांत कितेंय आसलें तरी, चालू दवरू येता.

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "वा राजप्रमूख" हीं उतरां काडलीं.

[2] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पयले अनुसुचीचो भाग (क) आनी भाग (ख) हातूंत विनिर्दिश्ट" हीं उतरां आनी अक्षरां काडलीं.

*मंत्रीमंडळ*

**74. राष्ट्रपतीक सहाय्य करपा खातीर आनी सल्लो दिवपा खातीर मंत्रीमंडळ.**—[1][(1) राष्ट्रपतीक सहाय्य करपा खातीर आनी सल्लो दिवपा खातीर प्रधानमंत्री प्रमुखपदार आशिल्लें एक मंत्रीमंडळ आसतलें आनी राष्ट्रपती आपणाल्या कार्याधिकारांचो वापर करतना अशा सल्ल्या प्रमाणें कार्य करतलो.]

[2][ताका शर्त अशी कीं, राष्ट्रपतीच्यान मंत्रीमंडळाक अशा सल्ल्याचो सर्वसादारणपणान वा हेर तरेन फेरविचार करपाक सांगूं येता, आनी राष्ट्रपती अशा फेरविचारा उपरांत दिल्ल्या सल्ल्या उपरांत कार्य करतलो.]

(2) मंत्र्यांनी राष्ट्रपतीक कितेंय सल्लो दिल्लो व्हय आनी तशें आसल्यार तो कसलो, ह्या प्रस्नाची खंयच्याच न्यायालयांत चवकशी करूंक मेळची ना.

**75. मंत्र्यां विशीं हेर उपबंध.**—(1) प्रधानमंत्री राष्ट्रपती कडल्यान नियुक्त जातलो आनी हेर मंत्री राष्ट्रपती कडल्यान प्रधानमंत्र्याच्या सल्ल्या प्रमाणें नियुक्त जातले.

[3][(1क) मंत्रीमंडळांत प्रधानमंत्र्या सयत वट्ट मंत्र्यांची संख्या लोकसभेंतल्या वट्ट वांगड्यांचे संख्येच्या पंदरा प्रतिश्यां परस चड आसची न्हय.

(1ख) खंयच्याय राजकी पक्षा कडेन संबंदीत, संसदेच्या खंयच्याय सभाघराचो वांगडी म्हूण धावे अनुसुचीच्या परिच्छेद 2 खाला अपात्र थारिल्ल्या वांगड्याक, तो अपात्र थारिल्ले तारखे पासून ताचो वांगडीपणाचो कार्यकाळ सोंपपाचे तारखे मेरेन, वा तो काळ सोंपचे आदीं, ताणें संसदेच्या खंयच्याय सभाघराच्या वांगडीपणा खातीर वेंचणूक लडयल्यार वा तो वेंचून आयिल्ल्याचें जाहीर जाल्ल्याचे तारखे मेरेन, हातूंतलें जें आदीं येत ते मेरेन, पोटकलम (1) खाला मंत्री म्हूण नेमणूक जावपाकूय अपात्र थारतलो.]

(2) राष्ट्रपतीची खोशी आसत मेरेन मंत्री अधिकारपदां धारण करतले.

(3) मंत्रीमंडळ लोकसभेक समुदायीकपणान जापसालदार आसतलें.

(4) मंत्र्यान आपणालें अधिकारपद ग्रहण करचे पयलीं राष्ट्रपती ताका अधिकारपद आनी गुप्तताय हांचे सोपूत त्या प्रयोजना खातीर तिसरे अनुसुचींत दिल्ल्या नमुन्या प्रमाणें दितलो.

---

[1] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 13 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं पोटकलम (1) हे सुवातेर घालें.

[2] संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 11 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[3] संविधान (एक्याण्णवावो बदल) अधिनेम, 2003, कलम 2 (1-1-2004 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

(5) जो मंत्री खंयच्याय कालावधींत सेगीत स म्हयने संसदेच्या खंयच्याच सभाघराचो वांगडी नासत, तांचें मंत्रीपद तो स म्हयन्यांचो अवधी सोंपना बाराबर समाप्त जातलें.

(6) मंत्र्यांचीं वेतनां आनी भत्ते संसद कायद्या वरवीं त्या-त्या वेळार थारायतली ते प्रमाणें आसतले आनी संसद हे प्रमाणें निर्धारीत करीसर, दुसरे अनुसुचींत विनिर्दिश्ट केल्ले प्रमाणें आसतले.

*भारताचो महा-न्यायवादी*

**76. भारताचो महा-न्यायवादी.**—(1) राष्ट्रपती, सर्वोच्च न्यायालयाचो न्यायाधीश म्हूण नियुक्त जावपाक जी व्यक्ती पात्र आसत अशे कोणेय व्यक्तीक भारताचो महा-न्यायवादी म्हूण नियुक्त करतलो.

(2) राष्ट्रपती कडल्यान महा-न्यायवाद्या कडेन केन्ना-केन्ना उल्लेखीत केल्ले अशा कायद्याच्या विशयांतल्या बाबींचेर भारत सरकाराक सल्लो दिवप आनी ताका नेमून दिवप अशीं हेर कायदेविशयक कामां करप आनी ह्या संविधाना वरवीं वा ताचे खाला वा त्या-त्या काळांत तात्पुरत्या लागू आशिल्ल्या हेर खंयच्याय कायद्या वरवीं वा ताचे खाला ताचे कडेन सोंपयिल्लीं कामां निभावप हें ताचें कर्तव्य आसतलें.

(3) आपणालीं कर्तव्यां करता आसतना महा-न्यायवाद्याक भारताच्या राज्यक्षेत्रांतल्या सगल्या न्यायालयांनी ताचें म्हणणें आयकून घेतले म्हणपाचो अधिकार आसतलो.

(4) महा-न्यायवादी राष्ट्रपतीची खोशी आसत मेरेन अधिकारपद धारण करतलो आनी ताका राष्ट्रपती निर्धारीत करीत अशें वेतन मेळटलें.

*सरकारी कामकाज चलोवप*

**77. भारत सरकाराचें कामकाज चलोवप.**—(1) भारत सरकाराचो संपूर्ण शासकी कारभार राष्ट्रपतीच्या नांवान करप जाता अशें व्यक्त करतले.

(2) राष्ट्रपतीच्या नांवान केल्ले आदेश आनी निश्पादीत केल्ले हेर संलेख राष्ट्रपतीन करपा आशिल्ल्या नेमां मदीं [1]विनिर्दिश्ट करतले अशे रितीन अधिप्रमाणीत करतले, आनी हे प्रमाणें अधिप्रमाणीत केल्लो आदेश वा संलेख राष्ट्रपतीन केल्लो वा निश्पादीत केल्लो ना, ह्या कारणा वयल्यान ताची कायदेशीरताय प्रस्नास्पद करूंक मेळची ना.

(3) भारत सरकाराचें काम चड सोयीस्करपणान जावचें हे खातीर आनी उक्त कामकाज मंत्र्यां मदीं वांटून दिवपा खातीर राष्ट्रपती नेम करतलो.

[2](4) * * * *

---

[1] त्या-त्या वेळार बदलिल्ल्यो अधिसुचोवण्यो क्रमांक S.O. 2297, तारीख 3 नोव्हेंबर, 1958 भारत राजपत्र असादारण, भाग II, कलम 3 (ii), पान नं.1315 पळयात.

[2] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 14 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं पोटकलम (4) निविश्ट केलें आनी संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 12 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें.

**78. राष्ट्रपतीक माहिती दिवपा संबंदांत प्रधानमंत्र्याचीं कर्तव्यां, आदी.**—

(क) संघराज्याच्या कारभाराच्या प्रशासना संबंदींचे मंत्रीमंडळाचे सगले निर्णय आनी विधीविधाना खातीर आयिल्ले सगले प्रस्ताव राष्ट्रपतीक कळोवप;

(ख) संघराज्याच्या कारभाराच्या प्रशासना संबंदीं आनी विधीविधाना खातीर आयिल्ल्या प्रस्तावां संबंदीं राष्ट्रपती मागयत ती माहिती ताका दिवप; आनी

(ग) जे बाबीचेर कोणाय मंत्र्यान निर्णय घेतिल्लो आसत पूण मंत्रीमंडळान जिचो विचार केल्लो ना अशी कसलीय बाब, राष्ट्रपतीन गरजेचें केल्यार मंत्रीमंडळाच्या विचारा खातीर सादर करप, हें प्रधानमंत्र्याचें कर्तव्य आसतलें.

## प्रकरण II.—संसद

*सर्वसादारण*

**79. संसदेची घडण.**—संघराज्या खातीर एक संसद आसतली आनी राष्ट्रपती तशेंच अनुक्रमान राज्यसभा आनी लोकसभा अशें म्हणटले, अशीं दोन सभाघरां मेळून ती जाल्ली आसतली.

**80. राज्यसभेची घडण.**—(1) [1][[2]***राज्यसभा]—

(क) पोटकलम (3)च्या उपबंधां प्रमाणें राष्ट्रपतीन नामनिर्देशीत करपाचे बारा वांगडी; आनी

(ख) राज्यांचे [3][आनी केंद्रशासीत प्रदेशांचे] चडांत चड दोनशें आठ्ठीस प्रतिनिधी, मेळून जाल्ली आसतली.

(2) राज्यसभेंतल्यो ज्यो सुवातो राज्यांच्या [3][आनी केंद्रशासीत प्रदेशांच्या] प्रतिनिधींनी भरपाच्यो त्या सुवातांची वांटणी चवथे अनुसुचींत आसपाविल्ल्या ते संबंदांतल्या उपबंधां प्रमाणें जातली.

(3) पोटकलम (1)चें उप-पोटकलम (क) हाचे खाला राष्ट्रपतीन नामनिर्देशीत करपाचे वांगडी म्हणल्यार फुडें दिल्ल्या बाबीं विशीं विशेश गिन्यान वा वेव्हारीक अणभव आशिल्ल्यो व्यक्ती आसतल्यो, त्यो बाबी अश्यो:—

साहित्य, विज्ञान, कला आनी समाजीक सेवा.

---

[1] संविधान (पस्तिसावो बदल) अधिनेम, 1974, कलम 3 (1-3-1975 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "राज्यसभा" हे सुवातेर घालें.

[2] संविधान (छत्तिसावो बदल) अधिनेम, 1975, कलम 5 (26-4-1975 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "धावे अनुसुचीच्या परिच्छेद 4च्या उपबंधाचे अधीनतायेन" हीं उतरां काडलीं.

[3] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 3 (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं जोडलें.

(4) [1]*** दर एका राज्याचे राज्यसभेंतले प्रतिनिधी त्या राज्याचे विधानसभेच्या वेंचून आयिल्ल्या वांगड्यां कडल्यान प्रमाणशीर प्रतिनिधित्व पद्धती प्रमाणें एकल संक्रमणीय मता वरवीं वेंचून दितले.

(5) [2][केंद्रशासीत राज्याचे] राज्यसभेंतले प्रतिनिधी संसद कायद्या वरवीं विहीत करतली अशे रितीन वेंचतले.

[3][**81. लोकसभेची घडण.**—(1) [4][अनुच्छेद 331च्या उपबंधांचें अधीनतायेन [5]***] लोकसभा—

(क) राज्यांतल्या क्षेत्रीय मंतदारसंघांतल्यान प्रत्यक्ष वेंचणुके वरवीं वेंचून काडिल्ले चडांत चड [6][पांचशें तीस वांगडी]; आनी

(ख) केंद्रशासीत प्रदेशांचें प्रतिनिधित्व करपा खातीर संसद कायद्या वरवीं उपबंध करीत अशे रितीन वेंचून काडिल्ले चडांत चड [7][वीस वांगडी], मेळून घडिल्ली आसतली.

(2) पोटकलम (1)चें उप-पोटकलम (क) हाच्या प्रयोजना खातीर—

(क) लोकसभेंत दर एका राज्याक अशे रितीन सुवातो वांटून दितले की, त्या सुवातांची संख्या आनी त्या राज्याची लोकसंख्या हांचें गुणोत्तर, वेव्हार्य आसत तितले मेरेन, सगल्या राज्याच्या संबंदांत सारकेंच आसतलें; आनी

(ख) दर एक राज्य अशे रितीन क्षेत्रीय मतदारसंघांनी विभाजीत जातलें की, दर एका मतदार संघराज्याची लोकसंख्या आनी ताका वांटून दिल्ल्या सुवातांची संख्या हांचें गुणोत्तर, वेव्हार्य आसत तितले मेरेन राज्यांत सगल्याक सारकेंच आसतलें:

[8][ताका शर्त अशी कीं, खंयच्याय राज्याची लोकसंख्या स दशलक्षां परस चड जायना तेन्ना मेरेन, त्या राज्याक लोकसभेंतल्यो सुवातो वांटून दिवपाच्या प्रयोजना खातीर ह्या पोटकलमाच्या उप-पोटकलम (क)चे उपबंध लागू जावचे नात.]

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 3 (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पयले अनुसुचीच्या भाग (क) वा भाग (ख) हातूंत विनिर्दिश्ट" हीं उतरां आनी अक्षरां काडलीं.

[2] कित्तो- कलम 3 (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पयले अनुसुचीच्या भाग (ग)त विनिर्दिश्ट राज्यां" हे सुवातेर घालें.

[3] कित्तो- कलम 4 (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 81 आनी 82 हे सुवातेर घालें.

[4] संविधान (पस्तिसावो बदल) अधिनेम, 1974, कलम 4 (1-3-1975 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "अनुच्छेद 331च्या उपबंधांचे अधीनतायेन रावून" हे सुवातेर घालें.

[5] संविधान (छत्तिसावो बदल) अधिनेम, 1975, कलम 5 (26-4-1975 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "आनी धावे अनुसुचीचो परिच्छेद 4" हीं उतरां आनी आंकडो काडलो.

[6] गोंय, दमण आनी दीव फेररचणूक अधिनेम, 1987 (1987चो 18वो), कलम 63 (30-5-1987 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पांचशें पंचवीस वांगडी" (30-5-1987 हे तारखे सावन लागू) हे सुवातेर घालें.

[7] संविधान (एकतिसावो बदल) अधिनेम, 1973, कलम 2 (17-10-1973 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पंचवीस वांगडी" हे सुवातेर घालें.

[8] कित्तो- कलम 2 (17-10-1973 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

(3) ह्या अनुच्छेदांत "लोकसंख्या" ह्या उतराचो अर्थ जे जनगणनेची संबंदीत आंकडेवारी उजवाडा आयल्या अशे निकटपूर्व जनगणनेंत अदमाशिल्ली लोकसंख्या असो आसा:

[1][ताका शर्त अशी कीं, पोटकलमांतलो, जे जनगणनेची संबंदीत आंकडेवारी उजवाडा आयल्या ती निकटपूर्व जनगणना ह्या उल्लेखाचो अर्थ, वर्स [2][2026] उपरांत जावपाचे आशिल्ले पयले जनगणनेची संबंदीत आंकडेवारी उजवाडा येसर,—

[3][(i) पोटकलम (2)च्या उप-पोटकलम (क) आनी त्या पोटकलमाच्या परंतुकाच्या प्रयोजना खातीर, 1971चे जनगणनेचो संदर्भ म्हूण; आनी

(ii) पोटकलम (2)च्या उप-पोटकलम (ख)च्या प्रयोजना खातीर, [4][2001]चे जनगणनेचो संदर्भ लायतले.]

असो अर्थ लायतले.]

**82. दर एके जनगणने उपरांत फेरसमायोजन.**—दर एक जनगणना पूर्ण जातकूच लोकसभेंतल्या सुवातांची राज्यांक दिल्ली वांटणी आनी दर एका राज्याची क्षेत्रीय मतदारसंघांनी केल्ली विभागणी हांचें, संसद कायद्या वरवीं निर्धारीत करीत अश्या प्राधिकरणा कडल्यान आनी अशे रितीन फेरसमायोजन करतले:

ताका शर्त अशी कीं, अशा फेरसमायोजनाक लागून, त्या वेळार अस्तित्वांत आशिल्ली लोकसभा बरखास्त जायत मेरेन त्या सभाघरांतल्या प्रतिनिधित्वाचेर परिणाम जावचो ना:

[5][ताका आनीक शर्त अशी कीं, अशें फेरसमायोजन राष्ट्रपती आदेशा वरवीं करतलो अशें तारखे सावन परिणामक जातलें आनी अशें फेरसमायोजन परिणामक जायत मेरेन, त्या सभाघराची खंयचीय वेंचणूक अशा फेरसमायोजना पयलीं अस्तित्वांत आशिल्ल्या क्षेत्रीय मतदारसंघाच्या आदारान घेवं येता:

ताका आनिकूय शर्त अशी कीं, वर्स [6][2026] उपरांत जावपाचे आशिल्ले जनगणनेची संबंदीत आंकडेवारी उजवाडाक येसर, [7][ह्या अनुच्छेदा खाला,—

---

[1] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 15 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं जोडलें.

[2] संविधान (चवद्यांयश्यांवो बदल) अधिनेम, 2001, कलम 3 (21-2-2002 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "2000" हे सुवातेर घालें.

[3] कित्तो- कलम 3 (21-2-2002 हे तारखे सावन लागू) वरवीं विशिश्ट उतरांचे सुवातेर घालें.

[4] संविधान (सत्यांयश्यांवो बदल) अधिनेम, 2003, कलम 2 (22-6-2003 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "1991" हे सुवातेर घालें.

[5] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 16 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[6] संविधान (चवद्यांयश्यांवो बदल) अधिनेम, 2001, कलम 2 (21-2-2002 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "2000" हे सुवातेर घालें.

[7] कित्तो- कलम 4 (21-2-2002 हे तारखे सावन लागू) वरवीं विशिश्ट उतरांचे सुवातेर घालें.

(i) 1971चे जनगणनेच्या आदारान फेरसमायोजीत केल्ले प्रमाणें लोकसभेंतल्या सुवातांची वांटणी; आनी

(ii) [1][2001]चे जनगणनेच्या आदारान फेरसमायोजीत करतले अश्या दर एका राज्याच्या क्षेत्रीय मतदारसंघांनी जाल्ली विभागणी,

फेरसमायोजीत करपाची गरज आसची ना.]]

**83. संसदेच्या सभाघरांचो कार्यावधी.**—(1) राज्यसभा बखास्ते अधीन आसची ना, पूण संसदेन कायद्या वरवीं निवृत्ते संबंदान केल्ल्या उपबंधां प्रमाणें तिच्या वांगड्यांतल्या एक तृतियांशाक शक्य तितले लागीं इतले वांगडी दर दुसरें वर्स सोंपतकूच जायत तितले बेगीन निवृत्त जातले.

(2) लोकसभा, तिचे कार्यावधी सोंपचे आदीं बरखास्त केली ना जाल्यार तिचे पयले बसके खातीर थारायिल्ले तारखे सावन [2][पांच वर्सां] चलतली आनी ताचे फुडें न्हय आनी तो कथीत [2][पांच वर्सां] काळ सोंपप त्या सभाघराची बरखास्ती म्हूण कर्य करतलें:

ताका शर्त अशी कीं, आणिबाणीची उद्घोशणा चालू आसतना तो कथीत काळ संसदेच्यान कायद्या वरवीं एके खेपेक एका वर्सा परस चड न्हय असो वाडवंक जायत आनी ती उद्घोशणा चलपाची बंद जाल्या उपरांत स म्हयन्यां परस चड काळ खंयचेच परिस्थितींत वाडोवंक जावचो ना.

**84. संसदेच्या वांगडीपणा खातीर पात्रताय.**—कोणूय व्यक्ती—

[3][(क) ती भारताचो नागरीक आसा आनी वेंचणूक आयोगान सोपूत वा दृढकथन हांच्या संबंदांत प्राधिकृत केल्ले कोणेय व्यक्ती मुखार, त्या प्रयोजना खातीर तिसरे अनुसुचींत दिल्ल्या नमुन्या प्रमाणें तिणें सोपूत घेवन वा दृढकथन करून ताचे खाला निशाणी केल्या;]

(ख) राज्यसभेंतले सुवातेच्या संबंदांत, ती उण्यांत उण्या तीस वर्सांचे पिरायेची आनी लोकसभेंतले सुवाते संदर्भांत, ती उण्यांत उण्या पंचवीस वर्सांचे पिरायेची आसा; आनी

(ग) संसदेन केल्ल्या खंयच्याय कायद्या वरवीं वा ताचे खाला ते संबंदांत विहीत करतले अश्यो हेर सगल्यो पात्रतायो तिचे ठांय आसात, अशें आसले बगर संसदेंतली सुवात भरपा खातीर जावपी वेंचणुकेक पात्र आसची ना.

---

[1] संविधान (सत्त्यांयश्यांवो बदल) अधिनेम, 2003, कलम 3 (22-6-2003 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "1991" हे सुवातेर घालें.

[2] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 17 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पांच वर्सां" हे सुवातेर घालें आनी संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 13 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "स वर्सां" हे सुवातेर घालें.

[3] संविधान (सोळावो बदल) अधिनेम, 1963, कलम 3 (5-10-1963 हे तारखे सावन लागू) वरवीं पोटकलम (क) हे सुवातेर घालें.

[1][**85. संसदेचीं सत्रां, सत्रसमाप्ती आनी बरखास्ती.**—(1) राष्ट्रपती स्वताक योग्य दिसत अशा वेळार आनी अशे सुवातेर बसका घेवपा खातीर संसदेच्या दर एका सभाघराक अभिनिमंत्रीत करतलो, पूण तिची एका सत्रांतली निमाणी बसका आनी फुडल्या सत्रांतले पयले बसके खातीर थारायिल्ली तारीख हांचे मजगतीं स म्हयन्यांचें अंतर पडचें ना.

(2) राष्ट्रपतीच्यान केन्ना-केन्ना—

(क) सभाघरांची वा तातूंतल्या खंयच्याय सभाघराची सत्रसमाप्ती करूं येता;

(ख) लोकसभा बरखास्त करूं येता.]

**86. राष्ट्रपतीचो सभाघरांक लेखून अभिभाशण करपाचो आनी संदेश धाडपाचो अधिकार.**—(1) राष्ट्रपतीच्यान संसदेच्या खंयच्याय सभाघराक वा एकठांय जमिल्ल्या दोनूय सभाघरांक लेखून अभिभाशण करूं येता, आनी त्या प्रयोजना खातीर वांगड्यांनी हाजीर रावप गरजेचें अशें करूं येता.

(2) राष्ट्रपतीच्यान संसदेच्या खंयच्याय सभाघराक संदेश धाडूं येता, मागीर ते संसदेंत त्यावेळार प्रलंबीत आशिल्ल्या खंयच्याय विधेयका विशीं आसूं वा हेर तरांचे आसूं, आनी जाका हे प्रमाणें खंयचोय संदेश धाडला तें सभाघर त्या संदेशा प्रमाणें जी बाब विचारांत घेवप गरजेचें आसत अशी खंयचीय बाब सोंपेपणान जाता तितले बेगीन विचारांत घेतलें.

**87. राष्ट्रपतीचें विशेश अभिभाशण.**—(1) राष्ट्रपती [2][लोकसभेचे दर एक सार्वत्रीक वेंचणुके उपरांत पयल्या सत्राच्या आरंभाक आनी दर वर्साच्या पयल्या सत्राच्या] आरंभाक, संसदेच्या एकठांय जमिल्ल्या दोनूय सभाघरांक लेखून अभिभाशण करतलो आनी तिका कित्या खातीर अभिनिमंत्रीत केल्या त्या कारणांची संसदेक माहिती दितलो.

(2) अशा अभिभाशणांत निर्देशिल्ल्या बाबींचे चर्चे खातीर वेळ वांटून घेवपा पासत [3]*** दोनूय सभाघरांचे कार्यपद्धतीचें विनेमन करपी नेमां वरवीं उपबंध करतले.

**88. मंत्री आनी महा-न्यायवादी हांचे सभाघरां विशीं अधिकार.**—दर एका मंत्र्याक आनी भारताच्या महा-न्यायवाद्याक संसदेच्या खंयच्याय सभाघरांत, सभाघरांचे खंयचेय संयुक्त बसकेंत, आनी संसदेचे जे समितेंत ताचें नांव वांगडी म्हूण घाल्लें आसत अशे खंयचेय समितेंत भाशण करपाचो आनी हेर तरेन तांच्या कामकाजांत वांटो घेवपाचो अधिकार आसतलो, पूण ह्या अनुच्छेदांच्या आदारान ताका मतदान करपाचो अधिकार आसचो ना.

---

[1] संविधान (पयलो बदल) अधिनेम, 1951, कलम 6 (18-06-1951 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 85 हे सुवातेर घालें.

[2] संविधान (पयलो बदल) अधिनेम, 1951, कलम 7 (18-06-1951 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "दर एक सत्र" हे सुवातेर घालें.

[3] कित्तो- कलम 7 (18-06-1951 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "आनी सभाघराच्या हेर कामकाजांत हे चर्चेक अग्रक्रम दिवपा खातीर" हीं उतरां काडलीं.

*संसदेचे अधिकारी*

**89. राज्यसभेचो सभापती आनी उप-सभापती.**—(1) भारताचो उप-राष्ट्रपती हो राज्यसभेचो पदसिद्ध सभापती आसतलो.

(2) राज्यसभा, जाता तितले बेगीन, राज्यसभेच्या एका वांगड्याक आपणालो उप-सभापती म्हूण वेंचतली आनी, उप-सभापतीचें पद रितें जातलें तेन्ना, राज्यसभा दुसऱ्या एका वांगड्याक आपणालो उप-सभापती म्हूण वेंचतली.

**90. उप-सभापतीपद रितें जावप आनी ताचो राजिनामो दिवप आनी ताचे वयल्यान कडेक काडप.**—राज्यसभेचो उप-सभापती म्हूण पद धारण करपी वांगड्याक—

(क) ताचें राज्यसभेचें वांगडीपण सोंपलें जाल्यार आपणालें पद सोडचें पडटलें;

(ख) सभापतीक लेखून स्वाक्षरीत बरपा वरवीं खंयच्याय वेळार आपणाल्या पदाचो उप-सभापतीन राजिनामो दिवं येता; आनी

(ग) राज्यसभेच्या त्या वेळा वयल्या सगल्या वांगड्यांच्या भोवमतान पास जाल्ल्या राज्यसभेच्या थारावा वरवीं ताका ताच्या पदा वयल्यान कडेक काडूं येता:

ताका शर्त अशी कीं, पोटकलम (ग)च्या प्रयोजना खातीर खंयचोय थाराव मांडपाचो उद्देश आसा म्हूण निदान चवदा दिसांची कळोवणी दिले बगर तो थाराव मांडचे नात.

**91. उप-सभापती वा हेर व्यक्ती हांचो सभापती पदाचीं कर्तव्यां करपाचो वा सभापती म्हूण कार्य करपाचो अधिकार.**—(1) सभापतीचें पद रितें आसत तेन्ना वा जेन्ना उप-राष्ट्रपती हो राष्ट्रपती म्हूण काम करता आसत वा ताचीं कार्यां करता आसत अशा खंयच्याय कालावधींत त्या पदाचीं कर्तव्यां, उप-सभापतीक, वा उप-सभापती पदूय रितें आसत जाल्यार, राष्ट्रपती त्या प्रयोजना खातीर जाका नियुक्त करीत अशा राज्यसभेच्या वांगड्याक करचीं पडटलीं.

(2) राज्यसभेचे खंयचेय बसकेंत सभापती गैरहाजीर आसता तेन्ना उप-सभापती, वा तोवूय गैरहाजीर आसल्यार, राज्यसभेच्या कार्यपद्दत नेमां वरवीं थारायतले अशी व्यक्ती वा अशी कोणूय व्यक्ती हाजीर नासल्यार, राज्यसभा थारायतली अशी दुसरी कोणूय व्यक्ती सभापती म्हूण कार्य करतली.

**92. सभापतीक वा उप-सभापतीक पदा वयल्यान कडेक काडपाचो थाराव विचाराधीन आसता तेन्ना ताणें अध्यक्षस्थान स्विकारिनासप.**—(1) राज्यसभेचे खंयचेय बसकेंत, उप-राष्ट्रपतीक ताच्या पदा वयल्यान कडेक काडपाचो खंयचोय थाराव विचाराधीन आसता तेन्ना सभापती ह्या नात्यान तो वा उप-सभापतीक ताच्या पदा वयल्यान काडपाचो खंयचोय थाराव विचाराधीन आसता तेन्ना उप-सभापती, स्वता हाजीर आसलो तरीय, अध्यक्षस्थान स्विकारचो ना आनी अनुच्छेद 91च्या पोटकलम (2)चे उपबंध सभापती, उप-सभापती, जशें आसत तशें, गैरहाजीर आशिल्ले बसकेच्या संबंदांत जशे लागू जातात तशे ते पयलीं सांगिल्ले अशे दर एके बसके संबंदांत लागू जातले.

(2) उप-राष्ट्रपतीक ताच्या पदा वयल्यान कडेक काडपाचो खंयचोय थाराव राज्यसभेंत विचाराधीन आसा तेन्ना, सभापतीक राज्यसभेंत भाशण करपाचो आनी ताच्या कामकाजांत हेर तरेन भाग घेवपाचो अधिकार आसतलो, पूण अनुच्छेद 100त कितेंय आसलें तरी अशें कामकाज चालू आसतना अशा थारावाचेर वा हेर खंयचेय बाबीचेर मतदान करपाचो ताका अधिकार आसचो ना.

**93. लोकसभेचो अध्यक्ष आनी उपाध्यक्ष.**—लोकसभा, जाता तितले बेगीन, सभाघराच्या दोन वांगड्यांक अनुक्रमान आपणालो अध्यक्ष आनी उपाध्यक्ष म्हूण वेंचतली आनी अध्यक्षाचें वा उपाध्यक्षाचें पद रितें जातलें तेन्ना-तेन्ना, तें सभाघर हेर एका वांगड्यांक अध्यक्ष वा उपाध्यक्ष जशें आसत तशें, म्हूण वेंचतलें.

**94. अध्यक्षपद आनी उपाध्यक्षपद रितें जावप वा ताचो राजिनामो दिवप आनी ताचे वयल्यान कडेक काडप.**—लोकसभेचो अध्यक्ष वा उपाध्यक्ष म्हूण पद धारण करपी वांगड्याक—

(क) ताचें लोकसभेचें वांगडीपण सोंपलें जाल्यार, आपणालें पद रितें करचें पडटलें;

(ख) असो वांगडी हो अध्यक्ष आसल्यार, उपाध्यक्षाक आनी असो वांगडी हो उपाध्यक्ष आसल्यार अध्यक्षाक लेखून स्वाक्षरीत बरपा वरवीं खंयच्याय वेळार आपणाल्या पदाचो ताच्यान राजिनामो दिवं येता; आनी

(ग) लोकसभेच्या त्या वेळा वयल्या सगल्या वांगड्यांच्या भोवमतान पास जाल्ल्या लोकसभेच्या थारावा वरवीं ताच्या पदा वयल्यान ताका कडेक काडूं येता:

ताका शर्त अशी कीं, पोटकलम (ग)च्या प्रयोजना खातीर, खंयचोय थाराव मांडपाचो उद्देश आसा अशी निदान चवदा दिसांची कळोवणी दिल्या बगर तो थाराव मांडचे नातः

ताका आनीक शर्त अशी कीं, लोकसभा बरखास्त जातली तेन्ना बरखास्ते उपरांत जावपाचे आशिल्ले लोकसभेचे पयले सभेचे निकटपूर्व मेरेनच्या अध्यक्षाक आपणालें पद रितें करूंक मेळचें ना.

**95. उपाध्यक्ष वा हेर व्यक्ती हांच्या अध्यक्षपदाचीं कर्तव्यां करपाचो वा अध्यक्ष म्हूण कार्य करपाचो अधिकार.**—(1) अध्यक्षाचें पद रितें आसत तेन्ना त्या पदाचीं कर्तव्यां उपाध्यक्षाक वा उपाध्यक्षाचें पद रितें आसत जाल्यार, राष्ट्रपती त्या प्रयोजना खातीर जाका नियुक्त करतलो अशा लोकसभेच्या वांगड्याक करचीं पडटलीं.

(2) लोकसभेचे खंयचेय बसकेक अध्यक्ष गैरहाजीर आसत तेन्ना उपाध्यक्ष वा, तोय गैरहाजीर आसल्यार, लोकसभेची कार्यपद्धत, नेमां वरवीं थारायतले अशी व्यक्ती वा अशी कोणूय व्यक्ती हाजीर नासल्यार, लोकसभा थारायतली अशी हेर कोणूय व्यक्ती अध्यक्ष म्हूण कार्य करतली.

**96. अध्यक्षाक वा उपाध्यक्षाक पदा वयल्यान कडेक काडपाचो थाराव विचाराधीन आसा तेन्ना ताणें अध्यक्षस्थान स्विकारप ना.**—(1) लोकसभेचे खंयचेय बसकेंत, अध्यक्षाक ताच्या पदा वयल्यान कडेक काडपाचो खंयचोय थाराव विचाराधीन आसा तेन्ना अध्यक्षाक, वा उपाध्यक्षाक ताच्या पदा वयल्यान कडेक काडपाचो खंयचोय थाराव विचाराधीन आसा तेन्ना उपाध्यक्ष, स्वता हाजीर आसलो तरीय, अध्यक्षस्थान स्विकारचो ना, आनी अनुच्छेद 95च्या पोटकलम (2)चे उपबंध अध्यक्ष, उपाध्यक्ष वा जशें आसत तशें, गैरहाजीर आशिल्ले बसके संबंदांत जशे लागू जातात, तशेच ते वयर सांगिल्ले अशे दर एके बसकेच्या संबंदांत लागू जातले.

(2) अध्यक्षाक ताच्या पदा वयल्यान कडेक काडपाचो थाराव लोकसभेंत विचाराधीन आसात तेन्ना ताका लोकसभेंत भाशण करपाचो आनी ताच्या कामकाजांत वा हेर तरेन वांटो घेवपाचो अधिकार आसतलो, आनी अनुच्छेद 100त कितेंय आसलें तरी, अशें कामकाज चालू आसता तेन्ना अशा थारावाचेर वा हेर खंयचेय बाबीचेर फकत पयलेच खेपे मतदान करपाचो ताका हक्क आसतलो, पूण मतां समसमान जालीं जाल्यार मतदानाचो हक्क ना.

**97. सभापती आनी उप-सभापती तशेंच अध्यक्ष आनी उपाध्यक्ष हांचीं वेतनां आनी भत्ते.**—राज्यसभेचो सभापती तशेंच उप-सभापती आनी लोकसभेचो अध्यक्ष तशेंच उपाध्यक्ष हांकां दर एकल्याक संसद कायद्या वरवीं थारायतल अशे पगार आनी भत्ते दितले आनी, ते संबंदांत हे प्रमाणें उपबंध करून जायत मेरेन, दुसरे अनुसुचींत विनिर्दिश्ट केल्लीं वेतनां आनी भत्ते दितले.

**98. संसदेचें सचिवालय.**—(1) संसदेच्या दर एका सभाघराक वेगळो वेगळो सचिवालयीन कर्मचारी वर्ग आसतलो:

ताका शर्त अशी कीं, संसदेच्या दोनूय सभाघरांक सामायीक अशा पदांची निर्मणी करपाक ह्या पोटकलमांतली खंयचीच बाब प्रतिबंधक आसा असो तिचो अर्थ लावचे नात.

(2) संसदेच्यान कायद्या वरवीं संसदेच्या खंयच्याय सभाघराच्या सचिवालयीन कर्मचारी वर्गांत करपाची भरती आनी तातूंत नियुक्त केल्ले व्यक्तींच्यो सेवा अटी हांचें विनेमन करूं येता.

(3) पोटकलम (2) खाला संसद उपबंध करीत मेरेन राष्ट्रपतीच्यान, लोकसभेचो अध्यक्ष वा राज्यसभेचो सभापती जशें आसत तशें, हांचो विचार घेवन उपरांत, लोकसभेच्या वा राज्यसभेच्या सचिवालयीन वर्गांत करपाची भरती आनी तातूंत नियुक्त केल्ल्या व्यक्तींच्यो सेवा अटी हांचे विनेमन करपी नेम करूं येतात, आनी हे प्रमाणें केल्ले कसलेय नेम वयल्या पोटकलमा खाला केल्ल्या खंयच्याय कायद्याच्या उपबंधाचे अधीनतायेन परिणामक आसतले.

*कामकाज चलोवप*

**99. वांगड्यांनी सोपूत घेवप वा दृढकथन करप.**—संसदेच्या खंयच्याय सभाघराचो दर एक वांगडी आपणाली सुवात ग्रहण करचे पयलीं राष्ट्रपती मुखार वा ताणें सोपूत वा दृढकथन हांच्या संबंदांत नियुक्त केल्ले खंयचेय व्यक्ती मुखार तिसरे अनुसुचींत ह्या प्रयोजना खातीर दिल्ल्या नमुन्या प्रमाणें सोपूत घेवन वा दृढकथन करून ताचे खाला निशाणी करतलो.

**100. सभाघरांतलें मतदान, सुवात रिती आसतनाय कार्य करपाचो सभाघरांचो अधिकार आनी गणपुर्ती.**—(1) ह्या संविधानांत हेर तरेन उपबंध केला आसत जाल्यार तितलें सोडून हेर बाबींनी, खंयच्याय सभाघरांतले खंयचेय बसकेंतले वा, सभाघरांचे संयुक्त बसकेंतले सगले प्रस्न अध्यक्ष, वा सभापती म्हूण वा अध्यक्ष म्हूण कार्य करपी व्यक्ती हांचे भायर हेर हाजीर आशिल्ल्या आनी मतदान करपी वांगड्यांच्या भोवमतान निर्णीत करतले.

सभापती वा अध्यक्ष, वा त्या नात्यान कार्य करपी व्यक्ती पयले खेपे मतदान करची ना पूण मतां समसमान जाल्यार, तिका निर्णायक मत दिवपाचो अधिकार आसतलो आनी तो अधिकार ती वापरतली.

(2) संसदेच्या खंयच्याय सभाघराच्या वांगडी कुळांत खंयचीय सुवात रिती आसल्यारूय त्या सभाघराक कार्य करपाचो अधिकार आसतलो आनी संसदेंतलें खंयचेंय कामकाज चलता त्या कामकाजाच्या वेळार थंय सुवातेर बसपाचो वा मतदान करपाचो वा हेर तरेन वांटो घेवपाचो जिका हक्क नाशिल्लो अशे कोणेय व्यक्तीन तशें केलां अशें मागीर कळ्ळें तरीय तें कायदेशीर उरतलें.

[1][(3) संसद, कायद्या वरवीं हेर तरेचो उपबंध करीसर, संसदेच्या दोनां भितरल्या खंयच्याय सभाघराची सभा जावपा खातीर लागपी गणसंख्या ही त्या सभाघराचे वट्ट वांगडी संख्येचो एक दशांश इतली आसतली.

(4) खंयच्याय सभाघराची सभा चालू आसतना खंयच्याय वेळार गणपुर्ती जाल्ली नासत जाल्यार, सभा तहकूब करप वा गणपुर्ती जायत मेरेन सभा स्थगीत करप हें सभापतीचें वा अध्यक्षाचें वा त्या नात्यान कार्य करपी व्यक्तीचें कर्तव्य आसतलें.]

*वांगड्यांच्यो अपात्रतायो*

**101. सुवातो रित्यो करप.**—(1) कोणूच व्यक्ती संसदेच्या दोनूय सभाघरांची वांगडी आसची ना आनी जी व्यक्ती दोनूय सभाघरांची वांगडी म्हूण वेंचिल्ली आसत जाल्यार तिणें दोनां मदल्या खंयच्याय एका सभाघरांतली तिची सुवात रिती करची हे खातीर संसदे कडल्यान कायद्या वरवीं उपबंध करतले.

---

[1] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 18 (तारीख अधिसुचीत करूंक ना) वरवीं पोटकलम (3) आनी (4) काडलें. हो बदल संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 45 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलो.

(2) कोणूच व्यक्ती संसद आनी [1]*** राज्याच्या विधीमंडळाचें सभाघर ह्या दोनांयची वांगडी आसची ना आनी कोणूय व्यक्ती संसद आनी [2][खंयच्याय राज्याच्या] विधीमंडळाचें सभाघर ह्या दोनांयची वांगडी म्हूण वेंचून आयली जाल्यार राष्ट्रपतीन केल्ल्या [*]नेमांत विनिर्दिश्ट करतले असो कार्यावधी सोंपतकूच, तिची संसदेंतली सुवात रिती जातली, मात तिणें हे पयलीं त्या राज्याच्या विधीमंडळांतले आपणाले सुवातेचो राजिनामो दिल्लो आसल्यार, बाब वेगळी जातली.

(3) संसदेच्या खंयच्याय सभाघराचो वांगडी—

(क) [3][अनुच्छेद 102चे पोटकलम (1) वा पोटकलम (2)] हातूंत उल्लेखिल्ल्यांतले खंयचेय अपात्रतायेक पात्र आसा जायत जाल्यार; वा

[4][(ख) आपल्या अक्षरांत आनी स्वाक्षरी करून, सभापती वा अध्यक्ष, जशें आसत तशें, हाका लेखून आपणाले सुवातेचो राजिनामो दिता आनी सभापती वा अध्यक्ष, जशें आसत तशें, ताचो राजिनामो स्विकारता,]

जाल्यार ताचे उपरांत ताची सुवात रिती जातली:

[5][ताका शर्त अशी कीं, उप-पोटकलम (ख) हातूंत निर्देशिल्ल्या खंयच्याय राजिनाम्याच्या संदर्भांत मेळिल्ले माहिती वयल्यान वा हेर कारणान, आनी स्वताक योग्य दिसत अशी चवकशी केल्या उपरांत जर, असो राजिनामो स्वेत्शेन वा प्रामाणीकपणान दिल्लो ना अशी सभापतीची वा अध्यक्षाची, जशें आसत तशें खात्री जाली जाल्यार, तो असो राजिनामो स्विकारचो ना.]

(4) संसदेच्या खंयच्याय सभाघराचो वांगडी सभाघराचे अनुज्ञे बगर साठ दिसांच्या कालावधी भितर त्या सभाघराच्या सगल्या सभांक गैरहाजीर रावलो जाल्यार, सभाघराच्यान ताची सुवात रिती म्हूण घोशीत करूं येताः

ताका शर्त अशी कीं, साठ दिसांचो वयर उल्लेखीत कालावधी मेजतना जेन्ना सभाघराची समाप्ती जाल्ली आसतली वा फाटोफाट चार दिसां परस चड काळ तें तहकूब आसत असो खंयचोय कालावधी हिशबाक धरचे नात.

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पयले अनुसुचीचो भाग (क) वा भाग (ख) हातूंत विनिर्दिश्ट" हीं उतरां आनी अक्षरां काडलीं.

[2] कित्तो- कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "अशें खंयचेंय राज्य" हे सुवातेर घालें.

[*] एकाच वेळार वांगडीपण प्रतिबंध नेम, 1950, विधी मंत्रालयान प्रकाशीत केल्ले, अधिसुचोवणी क्र. F.46/50-C, तारीख 26 जानेवारी, 1950, भारत राजपत्र, असादारण, पा. 678 पळोवचें.

[3] संविधान (बावनावो बदल) अधिनेम, 1985, कलम 2 (1-3-1985 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "अनुच्छेद 102चें पोटकलम (1)" हे सुवातेर घालें.

[4] संविधान (तेत्तिसावो बदल) अधिनेम, 1974, कलम 2 (19-5-1974 हे तारखे सावन लागू) वरवीं घालें.

[5] कित्तो- कलम 2 (19-5-1974 सावन) वरवीं निविश्ट केलें.

**102. वांगडीपणा संदर्भांत अपात्रतायो.**—(1) कोणूय व्यक्ती संसदेच्या खंयच्याय सभाघराचो वांगडी म्हूण वेंचून येवपाक आनी तसो वांगडी म्हूण रावपाक फुडल्या कारणाक लागून अपात्र जातली, ती अशी—

[1][(क) जें लाभपद ताच्या धारकाक अपात्र करपी ना अशें संसदेन कायद्या वरवीं घोशीत केल्लें आसा ताचे परस हेर अशें, भारत सरकाराच्या वा खंयच्याय राज्य शासनाचे अखत्यारे खालचें कसलेंय लाभपद तिणें धारण केलां आसत जाल्यार;]

(ख) ती मनोविकल आसत आनी सक्षम न्यायालया कडल्यान तशी घोशीत जाल्ली आसत जाल्यार;

(ग) ती अविमुक्त दिवाळखोर व्यक्ती आसत जाल्यार;

(घ) ती भारताची नागरीक नासत वा तिणें आपखोशेन परकी देशाचें नागरिकत्व मेळयलां आसत वा ती परकी देशाक निश्ठा वा इमान दिवपाक खंयचेय कबलाती वरवीं बांदिल्ली आसत जाल्यार;

(ङ) ती संसदेन केल्ल्या खंयच्याय कायद्या वरवीं वा ताचे खाला हे प्रमाणें अपात्र जाल्ली आसल्यार.

[2][ *फोडणिशी.*—ह्या पोटकलमाच्या प्रयोजना खातीर कोणूय व्यक्ती संघराज्याचो वा खंयच्याय राज्याचो मंत्री आसा इतल्याच कारणान, ती भारत सरकाराचो वा अश्या राज्यशासनाचे अखत्यारे खाला लाभपद धारण करता अशें मानचे नात.

[3][(2) धावे अनुसुचीचे अधीनतायेन अशे तरेन संसदेचो वांगडी जावपाक अपात्र जाल्ली आसत जाल्यार.]

[4][**103. वांगड्यांचे अपात्रताये संबंदींच्या प्रस्नां वयलो निर्णय.**—(1) संसदेच्या खंयच्याय सभाघराचो कोणूय वांगडी अनुच्छेद 102चे पोटकलम (1) हातूंत नमूद केल्ल्यांतले खंयचेय अपात्रतायेक पात्र जाला काय कितें ह्या प्रस्ना संबंदांत कितेंय वाद उप्रासल्यार तो प्रस्न राष्ट्रपती कडेन ताच्या निर्णया खातीर निर्देशीत करतले आनी ताणें दिल्लो निर्णय निमाणो आसतलो.

---

[1] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 19 (तारीख अधिसुचीत करूंक ना) वरवीं "(क) जें लाभपद ताच्या धारकाक अपात्र करपी ना अशें संसदेन कायद्या वरवीं घोशीत केल्लें आसा ताचे परस हेर अशें, भारत सरकाराच्या वा खंयच्याय राज्य शासनाच्या अखत्यारी खालचें कसल्याय लाभाच्या पदार तो आसत जाल्यार". हो बदल संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 45 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलो.

[2] संविधान (बावनावो बदल) अधिनेम, 1985, कलम 3 (1-3-1985 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "(2) ह्या अनुच्छेदाच्या प्रयोजनां खातीर" हे सुवातेर घालें.

[3] कित्तो- कलम 3 (1-3-1985 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[4] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 20 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 103 हे सुवातेर घालें आनी उपरांत संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 14 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 103 हे सुवातेर घालें.

(2) अशा कसल्याय प्रस्नाचेर कितेंय निर्णय दिवचे पयलीं, राष्ट्रपती वेंचणूक आयोगाचें मत घेतलो आनी अश्या मता प्रमाणें कार्य करतलो.]

**104. अनुच्छेद 99 खाला सोपूत घेवचे पयलीं वा दृढकथन करचे पयलीं वा पात्र नासतनाय वा अपात्र आसतनाय सुवातेर बसपा संबंदीं आनी मतदान करपा संबंदीं दंड.**—जर कोणेय व्यक्तीन, अनुच्छेद 99च्या गरजांक पाळो दिवचे पयलीं वा संसदेच्या खंयच्याय सभाघराच्या वांगडीपणाक आपूण पात्र ना वा अपात्र आसा वा संसदेन केल्ल्या खंयच्याय कायद्याच्या उपबंधां प्रमाणें त्या सभाघराचो वांगडी म्हूण ते सुवातेर बसपाची वा मतदान करपाची आपणाक बंदी आसा हें खबर आसुनूय ताणें तशें केलें जाल्यार ज्या ज्या दिसा ती व्यक्ती ते सुवातेर बशिल्ली आसत वा तिणें मतदान केल्लें आसत, त्या दर एका दिसा खातीर पांचशें रुपया इतल्या दंडाक ती पात्र जातली आनी तो दंड संघराज्याक येणें आशिल्लें देणें म्हूण वसूल करतले.

*संसद आनी तिच्या वांगड्यांचे अधिकार आनी उन्मुक्त्यो*

**105. संसदेचीं सभाघरां आनी तांचे वांगडी आनी समित्यो हांचे अधिकार, विशेशाधिकार, आदी.**—(1) ह्या संविधानाचे उपबंध आनी संसदेचे कार्यपद्धतीचें विनेमन करपी नेम आनी स्थायी आदेश हांचे अधीनतायेन, संसदेंत भाशण स्वातंत्र्य आसतलें.

(2) संसदेचो खंयचोय वांगडी, संसदेंत वा तिचे खंयचेय समितींत ताणें केल्ल्या खंयच्याच वक्तव्याचें वा ताणें केल्ल्या खंयच्याय मतदानांचे बाबतींत, खंयच्याच न्यायालयांत कसलेच कारवायेक पात्र जावचो ना आनी कोणूय व्यक्ती संसदेच्या खंयच्याय सभाघराच्या प्राधिकरणां वरवीं वा तांचे खाला उजवाडा आयिल्लो खंयचोय अहवाल, कागदपत्रां, मतदान वा कामकाजवृत्त हांच्या प्रकाशना संबंदांत हे प्रमाणें पात्र जावचो ना.

[1][(3) हेर संबंदांत, संसदेचें दर एक सभाघर आनी दर एका सभाघराचे वांगडी आनी समित्यो हांचे अधिकार, विशेशाधिकार आनी उन्मुक्त्यो ह्यो संसद, कायद्या वरवीं अदीं मदीं निश्चीत करतली ते प्रमाणें आसतल्यो आनी ते प्रमाणें त्यो निश्चीत जायसर [2][त्या सभाघराक आनी ताच्या वांगड्यांक आनी समित्यांक संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम 1978 हाचें कलम 15 लागू जावपाचे निकटपूर्व जश्यो आशिल्ल्यो तश्यो आसतल्यो.]].

---

[1] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 21 (तारीख अधिसुचीत करूंक ना) वरवीं घालें. हो बदल संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 45 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलो.

[2] संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 15 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं विशिश्ट उतरांचे सुवातेर घालें.

(4) पोटकलम (1), (2) आनी (3) हांचे उपबंध जशे संसदेच्या वांगड्यांच्या संबंदांत लागू आसात तशे ते, ह्या संविधानाच्या आदारान संसदेच्या खंयच्याय सभाघरांत वा ते खंयचेय समितींत भाशण करपाचो वा हेर तरेन तिच्या कामकाजांत वांटो घेवपाचो अधिकार आशिल्ल्या व्यक्तींच्या संबंदांत लागू आसतले.

**106. वांगड्यांचीं वेतनां आनी भत्ते.**—संसदेच्या खंयच्याय सभाघराचे वांगडी हे संसद कायद्या वरवीं अदीं मदीं थारायतली अशीं वेतनां आनी भत्ते मेळपाक आनी, ते संबंदांत हे प्रमाणें उपबंध जायसर, ह्या संविधानाच्या आरंभाच्या निकटपुर्वच्या भारतीय अधिराज्याचे संविधान सभेच्या संबंदांत लागू आशिल्ल्या अश्या दरांनी आनी अश्या अटींचेर भत्ते मेळपाक हकदार आसतले.

*वैधानीक कार्यपद्दत*

**107. विधेयकां मांडप आनी पास करप हे संबंदीं उपबंध.**—(1) अर्थ विधेयकां आनी हेर वित्तीय विधेयकां हांचे संबंदांत अनुच्छेद 109 आनी 117 हातूंत आशिल्ल्या उपबंधांचे अधीनतायेन, संसदेच्या खंयच्याय सभाघरांत विधेयकाचो आरंभ जावं येता.

(2) अनुच्छेद 108 आनी 109च्या उपबंधांचे अधीनतायेन संसदेच्या सभाघरांनी खंयचेंय विधेयक बदला बगर वा दोनूय सभाघरांनी संमत जाल्लें आसत अश्याच बदलां सयत संमत केल्या बगर दोनूय सभाघरांनी तें पास केल्लें आसा अशें मानचे नात.

(3) संसदेंत प्रलंबीत आशिल्लें विधेयक सभाघरांची सत्रसमाप्ती जाल्ल्या कारणान नूल जावचें ना.

(4) राज्यसभेंत प्रलंबीत आशिल्लें जें विधेयक लोकसभेन पास केल्लें नासत तें विधेयक लोकसभा बरखास्त जाल्ली आसल्यार नूल जावचें ना.

(5) जें विधेयक लोकसभेंत प्रलंबीत आसत, वा लोकसभे कडल्यान पास जावन राज्यसभेंत प्रलंबीत आसत तें विधेयक लोकसभा बरखास्त जाल्ली आसल्यार, अनुच्छेद 108च्या उपबंधाचे अधीनतायेन नूल जातलें.

**108. विशिश्ट प्रकरणांनी दोनूय सभाघरांची संयुक्त बसका.**—(1) जर खंयचेंय विधेयक एका सभाघरान पास करून दुसऱ्या सभाघरा कडेन धाडल्या उपरांत—

(क) तें विधेयक दुसऱ्या सभाघरान मानून घेतलें ना जाल्यार; वा

(ख) विधेयकांत करपाच्या बदला संबंदीं दोनूय सभाघरांचो अखेरेक मतभेद जालो जाल्यार; वा

(ग) दुसऱ्या सभाघराक विधेयक मेळिल्ल्याचे तारखे सावन तें विधेयक ताचे कडल्यान पास जायनासतना उरून स म्हयन्यां परस चड अवधी गेला आसल्यार,

विधेयकाचेर सल्लो-मसलत करपा खातीर आनी ताचेर मतदान करपा खातीर एक संयुक्त बसका घेवपाक सभाघरांक अभिनिमंत्रीत करपाचो आपणालो उद्देश राष्ट्रपतीच्यान सभाघरांची बसका चालू नासल्यार जाहीर अधिसुचोवणे वरवीं तांकां अधिसुचीत करूं येतात, मात लोकसभा बरखास्त जाल्ल्या कारणान विधेयक व्यपगत जालें जाल्यार बाब वेगळी जातली:

ताका शर्त अशी कीं, ह्या पोटकलमांतली खंयचीच बाब अर्थ विधेयकाक लागू आसची ना.

(2) पोटकलम (1) हातूंत निर्देशिल्लो असो स म्हयन्यांचो कालावधी मेजतना तातूंत, ज्या कालावधींत त्या पोटकलमाच्या उप-पोटकलम (क)त निर्देशिल्ल्या सभाघराची सत्रसमाप्ती जाल्ली आसत वा फाटोफाट चारां परस चड दीस तें तहकूब जाल्लें आसत असो खंयचोच कालावधी हिशबाक धरचे नात.

(3) राष्ट्रपतीन पोटकलम (1) खाला सभाघरांक संयुक्त बसका घेवपाक अभिनिमंत्रीत करपाचो आपणालो उद्देश अधिसुचीत केला आसत जाल्यार खंयचेंच सभाघर त्या विधेयकाचें कामकाज फुडें चलोवचें ना, पूण राष्ट्रपतीच्यान, ताणें अधिसुचीत केल्ल्याचे तारखे उपरांत केन्नाय ताणें तातूंत विनिर्दिश्ट केल्ल्या प्रयोजना खातीर संयुक्त बसका घेवपा खातीर अभिनिमंत्रीत करूं येता आनी ताणें हे प्रमाणें केल्यार सभाघर ते प्रमाणें बसका घेतलें.

(4) ह्या दोनूय सभाघरांचे संयुक्त बसकेंत संमत जाल्लीं आसतलीं अशीं विधेयकां, बदल जावपाचो आसल्यार, तांचे सयत तें विधेयक दोनूय सभाघरांच्या हाजीर आशिल्ल्या आनी मतदान करपी वांगड्यांचे वट्ट संख्येच्या भोवमतान पास जालें जाल्यार ह्या संविधानाच्या प्रयोजना खातीर तें दोनूय सभाघरांनी पास केलें अशें मानतले:

ताका शर्त अशी कीं, संयुक्त बसकेंत—

(क) तें विधेयक एका सभाघरा कडल्यान पास जाल्लें आसा आनी दुसऱ्या सभाघरा कडल्यान बदला सयत पास जाल्लें नासत आनी जंय ताची पयली सुरवात जाली त्या सभाघरा कडेन परत धाडूंक नाशिल्लें आसत जाल्यार, विधेयक पास जावपा खातीर जाल्ल्या कळावाक लागून विधेयकांत जे बदल करप गरजेचें जालें आसत अशे थोडे बदल आसल्यार ताचे परस वेगळे कसलेच बदल विधेयकांत प्रस्तावीत करचे नात;

(ख) जर हे प्रमाणें तें विधेयक पास जावन परत धाडलें जाल्यार, विधेयकाक पुर्वोक्त अशे बदल आनी जाचे संबंदांत मतैक्य जाल्लें नासत अश्या बाबीं कडेन सुसंगत अशे हेर बदल प्रस्तावीत करतले;

आनी ह्या पोटकलमा खाला खंयचे बदल ग्राह्य आसात ते संबंदीं, येजमानपदार आशिल्ले व्यक्तीचो निर्णय निमाणो आसतलो.

(5) संयुक्त बसका घेवचे खातीर सभाघरांक अभिनिमंत्रीत करपाचो आपणालो उद्देश राष्ट्रपतीन अधिसुचीत केल्या उपरांत, मदल्या काळांत लोकसभा बरखास्त जाल्ली आसल्यारूय, ह्या अनुच्छेदा खाला संयुक्त बसका घेवं येता आनी तातूंत विधेयक पास करूं येता.

**109. अर्थ विधेयका संबंदीं खाशेली कार्यपद्दत.**—(1) अर्थ विधेयक राज्यसभेंत मांडचे नात.

(2) लोकसभेन अर्थ विधेयक पास केल्या उपरांत, तें राज्यसभे कडेन तिचे शिफारशी खातीर धाडटले, आनी तें विधेयक मेळिल्ल्याचे तारखे सावन चवदा दिसांच्या कालावधी भितर राज्यसभा आपणाल्या शिफारशीं सयत तें परतें धाडटली आनी राज्यसभेच्यो सगल्यो वा तांचे मदल्यो खंयच्योय शिफारशी स्विकारूं येतात वा अमान्य करूं येतात तें लोकसभा थारायतली.

(3) लोकसभेन राज्यसभेच्या शिफारशींतल्यो खंयच्योय शिफारशी स्विकारल्यो जाल्यार, अर्थ विधेयक राज्यसभेन शिफारस केल्ल्या आनी लोकसभेन स्विकारिल्ल्या बदलां सयत दोनूय सभाघरांनी संमत केलें अशें मानतले.

(4) लोकसभेन, राज्यसभेन केल्ल्या कसल्याय शिफारशींतल्यो खंयच्योय शिफारशी मान्य केल्यो नात जाल्यार, अर्थ विधेयक लोकसभेन जशें संमत केल्लें तश्या रुपांत, राज्यसभेन शिफारस केल्ल्यां मदल्या कसल्याच बदला बगर तें दोनूय सभाघरांनी संमत केलां अशें मानतले.

(5) जर लोकसभेन संमत केल्लें आनी राज्यसभे कडेन तिचे शिफारशी खातीर धाडिल्लें अर्थ विधेयक वयर सांगल्यात त्या चवदा दिसांच्या कालावधी भितर लोकसभे कडेन परत धाडलें ना जाल्यार, वयर सांगला तो कालावधी सोंपल्या उपरांत तें लोकसभेन जशें संमत केल्लें तश्या रुपांत दोनूय सभाघरांनी संमत केलें अशें मानतले.

**110. "अर्थ विधेयकां" हांची व्याख्या.**—(1) ह्या प्रकरणाच्या प्रयोजना खातीर, खंयच्या विधेयकांत फकत फुडल्यो सगल्यो बाबी वा तातूंतल्या खंयच्याय बाबीं कडेन संबंदीत आशिल्ले उपबंध आसपावीत आसले जाल्यार, तें अर्थ विधेयक आसा अशें मानतले, त्यो बाबी अश्यो:—

(क) खंयचोय कर लावप, तो रद्द करप, तो माफ करप तातूंत फेरबदल करप वा ताचें विनेमन करप;

(ख) भारत सरकारान दुडू उश्णो घेवप वा कसलीय हमी दिवप हांचें विनेमन; वा भारत सरकारान पत्करिल्ले वा पत्करपाचे कसलेय वित्तीय लागणुके संबंदींच्या कायद्यांतलो बदल;

(ग) भारताचो एकवटीत निधी वा आकस्मीकताय निधी हांची अभिरक्षा करप, अशा खंयच्याय निधींत दुडवांचो भरणो करप वा तातूंतल्यान दुडू काडप;

(घ) भारताच्या एकवटीत निधींतल्या दुडवांचें विनियोजन;

(ङ) खंयचोय खर्च भारताच्या एकवटीत निधीचेर प्रभारीत आशिल्लो खर्च म्हूण घोशीत करप, वा अशा कसल्याय खर्चाची रक्कम वाडोवप;

(च) भारताच्या एकवटीत निधीच्या वा भारताच्या लोकलेख्याच्या खात्यांत दुडवांची प्राप्ती वा अशा दुडवांची अभिरक्षा वा तांचें निर्गमन वा संघराज्याची वा खंयच्याय राज्याची लेखापरिक्षा; वा

(छ) उप-पोटकलम (क) ते (च) हातूंत विनिर्दिश्ट केल्ल्यांतले खंयचेय बाबीक अनुशंगीक आशिल्ली खंयचीय बाब.

(2) खंयचेंय विधेयक हें फकत द्रव्यदंड वा हेर अर्थीक दंड लावपा खातीर वा परवानो शुल्काची वा दिल्ले सेवे खातीर शुल्काची मागणी वा भरणो करपा खातीर उपबंध करता इतल्याच कारणा वयल्यान, वा खंयच्याय थळाव्या प्राधिकरणान वा निकायान थळाव्या प्रयोजना खातीर खंयचोय कर लावप, तो रद्द करप, तो माफ करप, तातूंत फेरबदल करप, वा ताचें विनेमन करप हाचे खातीर उपबंध करता इतल्याच कारणा वयल्यान तें अर्थ विधेयक आसा अशें मानचे नात.

(3) कसलेंय विधेयक अर्थ विधेयक आसा काय ना असो प्रस्न उप्रासल्यार, लोकसभेच्या अध्यक्षाचो ताचे वयलो निर्णय निमाणो आसतलो.

(4) दर एक अर्थ विधेयक अनुच्छेद 109 खाला राज्यसभे कडेन धाडटले तेन्ना, आनी अनुच्छेद 111 खाला राष्ट्रपतीक ताचे अनुमती खातीर दितले तेन्ना, तें अर्थ विधेयक आसा अशें लोकसभेच्या अध्यक्षाचे स्वाक्षरेचें प्रमाणपत्र ताचेर पृश्ठांकीत केल्लें आसतलें.

**111. विधेयकांक अनुमती.**—संसदेच्या सभाघरां कडल्यान विधेयक पास जाल्लें आसतलें तेन्ना, तें राष्ट्रपती मुखार दवरतले आनी राष्ट्रपती एक तर आपूण त्या विधेयकाक अनुमती दितां अशें घोशीत करतलो वा ताचे पसून अनुमती आडावन धरतां अशें घोशीत करतलो:

ताका शर्त अशी कीं, विधेयक राष्ट्रपती मुखार अनुमती खातीर दवरले उपरांत, तें अर्थ विधेयक नासल्यार, जाता तितले बेगीन, ताच्यान तें विधेयक सभाघरां कडेन संदेशा सयत परत धाडून दिवन अशी विनंती करूं येता कीं, तांणी त्या विधेयकाचो वा तातूंतल्या खंयच्याय विनिर्दिश्ट उपबंधांचो फेरविचार करचो आनी विशेशतायेन, तो आपणाल्या संदेशांत जांची शिफारस करतलो अशे कसलेय बदल प्रस्तूत करपाचे इश्टतायेचो विचार करचो, आनी विधेयक हे प्रमाणें परतें धाडटले तेन्ना, सभाघरां त्या विधेयकाचेर ते प्रमाणें फेरविचार करतलीं, आनी जर तें विधेयक सभाघरांनी बदला सयत वा ताचे बगर परतेंय पास केलां आनी राष्ट्रपती मुखार अनुमती खातीर दवरलां अशें जायत जाल्यार, राष्ट्रपती अनुमती आडावन दवरचो ना.

*वित्तीय बाबींतली कार्यपद्दत*

**112. वर्सुकें वित्तीय विवरणपत्र.**—(1) राष्ट्रपती दर एका वित्तीय वर्सा विशीं भारत सरकाराची त्या वर्सा पुरती अदमाशीत येणावळ आनी खर्च हांचें, ह्या भागांत "वर्सुकें वित्तीय विवरणपत्र" म्हूण निर्दिश्ट केल्लें विवरणपत्र संसदेच्या दोनूय सभाघरां मुखार दवरूंक लायतलो.

(2) वर्सुक्या वित्तीय विवरणपत्रांत दिल्ल्या खर्चाच्या अदमासपत्रकांत—

(क) भारताच्या एकवटीत निधीचेर प्रभारीत आशिल्लो खर्च म्हूण ह्या संविधानान वर्णीत केल्लो खर्च भागोवपा खातीर गरजेच्यो आशिल्ल्यो रकमो; आनी

(ख) जो खर्च भारताच्या एकवटीत निधींतल्यान करपाचो अशें प्रस्तावीत केल्लें आसत असो हेर खर्च भागोवपा खातीर गरजेच्यो आशिल्ल्यो रकमो,

वेगळ्यो-वेगळ्यो दाखयतले, आनी म्हासुली लेख्या वयलो खर्च हेर खर्चा परस वेगळो दाखयतले.

(3) फुडलो खर्च भारताच्या एकवटीत निधीचेर प्रभारीत असो खर्च आसतलो—

(क) राष्ट्रपतीचे परिलाभ आनी भत्ते आनी ताच्या पदा संबंदींचो हेर खर्च;

(ख) राज्यसभेचो सभापती आनी उप-सभापती तशेंच लोकसभेचो अध्यक्ष आनी उपाध्यक्ष हांचीं वेतनां आनी भत्ते;

(ग) भारत सरकाराचें दायित्व आसा अशे कळंतर, रीण निवारण निधी आकार तशेंच सोडवणी आकार हांचे सयत रीणां काडप आनी देण्याचें प्रबंधन आनी सोडवणी हांचे संबंदींचो हेर खर्च;

(घ)(i) सर्वोच्च न्यायालयाच्या न्यायाधिशांक वा तांचे संबंदीं दिवपाचीं वेतनां, भत्ते आनी पॅन्शनां;

(ii) फॅडरल न्यायालयाच्या न्यायाधिशांक वा तांचे संबंदांत दिवपाचीं पॅन्शनां;

(iii) भारताच्या राज्यक्षेत्रांत आसपावीत आशिल्ल्या क्षेत्रा संबंदीं न्यायाधिकारिताय वापरपी अशा वा संविधानाच्या आरंभा पयलीं खंयच्याय वेळार [1][डॉमिनियन ऑफ इण्डियांतल्या गव्हर्नर प्रांतांत] आसपावीत आशिल्ल्या खंयच्याय क्षेत्रा संबंदीं जाणें न्यायाधिकारिताय वापरिल्ली अश्या खंयच्याय न्यायालयाच्या न्यायाधिशांक वा तांचे संबंदांत दिवपाचीं पॅन्शनां;

(ङ) भारताचो नियंत्रक आनी महालेखापरिक्षक हाका वा ताचे संबदांत दिवपाचें वेतन, भत्ते आनी पॅन्शन;

(च) खंयच्याय न्यायालयाचो वा लवाद अधिकरणाचो खंयचोय न्यायनिर्णय, हुकूमनामो वा निवाडो हांची पूर्तताय करपा खातीर गरजेच्यो आशिल्ल्यो रकमो;

(छ) जो खर्च हे प्रमाणें प्रभारीत आसा अशें ह्या संविधाना वरवीं वा संसदेन कायद्या वरवीं घोशीत केलां आसत असो हेर कसलोय खर्च.

**113. अदमासपत्रका संबंदांत संसदेंतली कार्यपद्दत.**—(1) अदमासपत्रकांतलो जितलो भाग भारताच्या एकवटीत निधीचेर प्रभारीत आशिल्ल्या खर्चा कडेन संबंदीत आसत तितलो भाग संसदेच्या मताक दवरचे नात, पूण संसदेच्या खंयच्याय सभाघरांत तातूंतल्या खंयच्याय अदमासा वयले चर्चेक ह्या पोटकलमांतली खंयचीच बाब प्रतिबंधक आसा असो ताचो अर्थ लावचे नात.

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पयले अनुसुचीचो भाग क हातूंत विनिर्दिश्ट राज्याचे तदनुरूप प्रांत" हे सुवातेर घालें.

(2) वयल्या अदमासपत्रकांतलो हेर खर्चा कडेन संबंदीत आसत तितलो भाग अनुदाना खातीर मागण्यांच्या रुपान लोकसभे मुखार दवरतले, आनी लोकसभेक खंयचेय मागणेक अनुमती दिवपाचो वा अनुमती न्हयकारपाचे वा तातूंत विनिर्दिश्ट केल्ले रकमेंत कपात करून ते मागणेक अनुमती दिवपाचो अधिकार आसतलो.

(3) अनुदाना खातीरची कसलीय मागणी राष्ट्रपतीची शिफारस आसल्या बगर करचे नात.

**114. विनियोजन विधेयकां.**—(1) लोकसभेन अनुच्छेद 113 खालचीं अनुदानां मंजूर केल्या उपरांत जाता तितले बेगीन,—

(क) लोकसभेन हे प्रमाणें मंजूर केल्लीं अनुदानां; आनी

(ख) भारताच्या एकवटीत निधीचेर प्रभारीत आशिल्लो पूण कितेंय जालें तरी, संसदे मुखार पयलीं दवरिल्ल्या विवरणपत्रांत दाखयिल्ल्या खर्चा परस जो चड आसचो ना असो खर्च, भागोवपा खातीर गरजेच्या आशिल्ल्या सगल्या दुडवांचें भारताच्या एकवटीत निधींतल्यान विनियोजन करपाचे उपबंध करपा खातीर एक विधेयक मांडटले.

(2) ज्या बदलाचो परिणाम म्हूण हे प्रमाणें मंजूर केल्ल्या कसल्याय अनुदानाची रक्कम उणी जायत वा ताच्या पुर्वोद्दिश्टांत फेरबदल जायत वा भारताच्या एकवटीत निधीचेर प्रभारीत केल्ल्या कसल्याय खर्चाची रक्कम उणी-चड जायत असो कसलोच बदल संसदेच्या खंयच्याच सभाघरांत अश्या खंयच्याच विधेयकाक प्रस्तावीत करचे नात आनी ह्या पोटकलमा प्रमाणें कसलोय बदल अग्राह्य आसा काय कितें हे संबंदांत, येजमानपदार आशिल्ले व्यक्तीचो निर्णय निमाणो आसतलो.

(3) अनुच्छेद 115 आनी 116 हांच्या उपबंधाचे अधीनतायेन ह्या अनुच्छेदांच्या उपबंधा प्रमाणें पास जाल्ल्या कायद्या वरवीं विनियोजन केल्लें आसले बगर भारताच्या एकवटीत निधींतल्यान कसलोच दुडू काडचे नात.

**115. पुरक, अतिरिक्त वा अदीक अनुदानां.**—(1) जर—

(क) अनुच्छेद 114च्या उपबंधा प्रमाणें केल्ल्या खंयच्याय कायद्या वरवीं चालू वित्तीय वर्सांत खंयचेय विशिश्ट सेवे खातीर खर्च करपाची म्हूण प्राधिकृत केल्ली रक्कम त्या वर्साच्या प्रयोजनां खातीर अपुरी आसा अशें दिसलें जाल्यार वा चालू वित्तीय वर्साच्या वर्सुक्या वित्तीय विवरणपत्रांत जे संबंदीं पयलीं अदमास बांदूक नाशिल्लो अशे कसलेय नवे सेवे खातीर पुरक वा अतिरिक्त खर्चाची त्या वर्सांत गरज उप्रासल्या आसत तेन्ना; वा

(ख) खंयच्याय वित्तीय वर्सांत खंयचेय सेवेचेर ते सेवे खातीर आनी त्या वर्सा खातीर मंजूर जाल्ले रकमे परस अदीक दुडू खर्च जाला आसत जाल्यार,

राष्ट्रपती संसदेच्या दोनूय सभाघरां मुखार त्या खर्चाची अदमाशीत रक्कम दाखोवपी दुसरें विवरणपत्र दवरूंक वा लोकसभे मुखार अशी कसल्येय अदीक खर्चाची मागणी करूंक, जशें आसत तशें लायतले.

(2) अनुच्छेद 112, 113 आनी 114 हांचे उपबंध जशे वर्सुकें वित्तीय विवरणपत्र आनी तातूंत नमूद केल्लो खर्च वा अनुदाना खातीर मागणी आनी असो खर्च वा अनुदान भागोवपा खातीर भारताच्या एकवटीत निधींतल्या दुडवांचें विनियोजन प्राधिकृत करपा खातीर करपाचो कसलोय कायदो हांच्या संबंदांत परिणामक आसात, तशे ते वयर सांगिल्लें अशें खंयचेंय विवरणपत्र आनी खर्च वा मागणी हांचे संबंदांत आनी असो खर्च वा अशे मागणेच्या संदर्भांतलें अनुदान भागोवपा खातीर भारताच्या एकवटीत निधींतल्या दुडवांचें विनियोजन प्राधिकृत करपा खातीर, करपाच्या कसल्याय कायद्याच्या संबंदांतूय परिणामक आसतले.

**116. लेखानुदानां, प्रत्ययानुदानां आनी आडवाद आशिल्लीं अनुदानां.**—(1) ह्या प्रकरणाच्या पुर्वगामी उपबंधांनी कितेंय आसलें तरी, लोकसभेक—

(क) खंयच्याय वित्तीय वर्साच्या खंयच्याय भागा खातीर अदमाशीत खर्चा विशींच्या कसल्याय अनुदाना वयल्या मतदाना खातीर अनुच्छेद 113त विहीत केल्ले प्रमाणें ती प्रक्रिया पूर्ण जावन त्या खर्चाच्या संबंदांत अनुच्छेद 114च्या उपबंधा प्रमाणें कायदो पास जायसर अशें कसलेंय अनुदान पयलींच मंजूर करपाचो;

(ख) भारताचे साधन-संपदेंतल्यान पूर्ण करपाची कसलीय मागणी ते सेवेचो व्याप वा तिचें अनिश्चीत स्वरूप हाका लागून वर्सुक्या वित्तीय विवरणपत्रांत सादारपणान दितात त्या तपशिलां सयत नमूद करूंक मेळना तेन्ना, अशी अनपेक्षीत मागणी पूर्ण करपा खातीर अनुदान मंजूर करपाचो;

(ग) जें खंयच्याय वित्तीय वर्साचे चालू सेवेचो भाग जायना अशें आडवाद आशिल्लें अनुदान मंजूर करपाचो अधिकार आसतलो,

आनी ज्या प्रयोजना खातीर वयलीं अनुदानां मंजूर केल्लीं आसतीत तांचे खातीर भारताच्या एकवटीत निधींतल्यान दुडू काडप हें कायद्या वरवीं प्राधिकृत करपाचो संसदेक अधिकार आसतलो.

(2) अनुच्छेद 113 आनी 114 हांचे उपबंध जशे वर्सुक्या वित्तीय विवरणपत्रांत नमूद केल्ल्या कसल्याय खर्चा संबंदीं अनुदान मंजूर करपाच्या आनी असो खर्च भागोवपा खातीर भारताच्या एकवटीत निधींतल्या दुडवांचें विनियोजन प्राधिकृत करपा खातीर, करपाच्या कायद्याच्या संबंदांत परिणामक आसात तशे ते पोटकलम (1)खाला कसलेंय अनुदान मंजूर करपाच्या आनी त्या पोटकलमा खाला करपाच्या कसल्याय कायद्याच्या संबंदांत परिणामक आसतले.

**117. वित्तीय विधेयकां संबंदीं विशेश उपबंध.**—(1) अनुच्छेद 110च्या पोटकलम (1)च्या उप-पोटकलम (क) ते (च) हातूंत विनिर्दिश्ट केल्ल्या खंयच्याय बाबीं खातीर उपबंध करपी विधेयक वा बदल, राश्ट्रपतीची शिफारस आसले बगर प्रस्तूत करप वा मांडप जावचें ना, आनी अशे उपबंध करपी विधेयक राज्यसभेंत मांडचे नात:

ताका शर्त अशी कीं, कसलोय कर उणो करप वा तो रद्द करप हांचे विशीं उपबंध करपी बदल मांडपा खातीर ह्या पोटकलमा खाला कसलेच शिफारशीची गरज आसची ना.

(2) कसलेंय विधेयक वा बदल हे द्रव्यदंड वा हेर द्रव्यख्यास्ती लावपा खातीर, वा परवानो - शुल्क वा दिल्ल्या सेवां खातीर शुल्क हांची मागणी वा भरणो हांचे खातीर उपबंध करता इतल्याच कारणान, वा खंयच्याय थळाव्या प्राधिकरणान वा निकायान थळाव्या प्रयोजनां खातीर कसलोय कर लावप, तो रद्द करप, तो माफ करप, तातूंत फेरबदल करप वा ताचें विनेमन करप हाचे खातीर उपबंध करता इतल्याच कारणान, ते पयलीं सांगिल्ल्यां मदीं खंयचेच बाबी खातीर उपबंध करता अशें मानचे नात.

(3) जें विधेयक अधिनेमीत केल्यार आनी लागू केल्यार भारताच्या एकवटीत निधींतल्यान खर्च करचो पडटलो तें विधेयक संसदेच्या खंयच्याय सभाघराक तें विचारांत घेवपा खातीर राष्ट्रपतीन त्या सभाघराक शिफारस केल्ली आसले बगर, पास करूंक मेळचें ना.

*सर्वसादारण कार्यपद्दत*

**118. कार्यपद्दतीचे नेम.**—(1) संसदेच्या दर एका सभाघराच्यान ह्या संविधानाच्या उपबंधांचे अधीनतायेन, आपणाली कार्यपद्दत* आनी कामकाज चलोवप हांचें विनेमन करपा खातीर नेम करूं येतात.

(2) पोटकलम (1) खाला नेम करीसर, ह्या संविधानाच्या आरंभाचे निकटपूर्व डॉमिनियन ऑफ इण्डियाच्या विधीमंडळा संबंदीं लागू आशिल्ले कार्यपद्दतीचे नेम आनी स्थायी आदेश हे, राज्यसभेचो सभापती, लोकसभेचो अध्यक्ष जशें आसत तशें, तातूंत जीं आपरिवर्तनां वा अनुकुलनां करीत तांचे सयत संसदेच्या संबंदांत परिणामक आसतलें.

(3) राष्ट्रपतीच्यान, राज्यसभेचो सभापती आनी लोकसभेचो अध्यक्ष हांचो विचार घेतल्या उपरांत, दोनूय सभाघरांच्यो संयुक्त बसका आनी तांचे मदलें संचारण हांचे संबंदींचे कार्यपद्दती संबंदीं नेम करूं येतात.

(4) दोनूय सभाघरांचे संयुक्त बसकेंत लोकसभेचो अध्यक्ष वा ताचे गैरहाजिरेंत पोटकलम (3) खाला केल्ल्या कार्यपद्दत नेमां वरवीं निर्धारीत करूं येत अशी व्यक्ती येजमानपदार आसतली.

**119. वित्तीय कामकाजा संबंदीं संसदेचे कार्यपद्दतीचें कायद्या वरवीं विनेमन.**—संसदेच्यान, वित्तीय कामकाज वेळार पूर्ण जावचें हे खातीर, खंयचेय वित्तीय बाबीच्या संबंदांत वा भारताच्या एकवटीत निधींतल्यान दुडवांचें विनियोजन करपा खातीर हाडिल्ल्या खंयच्याय विधेयकाच्या संबंदांत संसदेच्या दर एका सभाघराची कार्यपद्दत आनी तातूंतल्या कामकाजाचें चलोवप हांचें कायद्या वरवीं विनेमन करूं येता, आनी ते प्रमाणें केल्ल्या कसल्याय कायद्याचो खंयचोय उपबंध अनुच्छेद 118च्या पोटकलम (1) खाला संसदेच्या खंयच्याय सभाघरान केल्ल्या खंयच्याय नेमा कडेन वा त्या अनुच्छेदाच्या पोटकलम (2) खाला संसदेच्या संबंदांत परिणामक आशिल्ल्या खंयच्याय नेमा कडेन वा स्थायी आदेशा कडेन विसंगत आसत जाल्यार आनी तितलेच मर्यादे मेरेन अशे उपबंध चड प्रभावी थारतले.

---

* संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 22 (तारीख अधिसुचीत करूंक ना) वरवीं "(सभाघराची बसका घडोवपा खातीर गणपुर्तीक धरून" ही कंस आनी उतरां निविश्ट केलीं. हो बदल संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 45 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलो.

**120. संसदेंत वापरपाची भास.**—(1) XVIIव्या भागांत कितेंय आसलें तरीय, अनुच्छेद 348चे उपबंधाचे अधीनतायेन, संसदेंतलें कामकाज हिंदींतल्यान वा इंग्लीशींतल्यान चलयतले:

ताका शर्त अशी कीं, राज्यसभेच्या सभापतीच्यान वा लोकसभेच्या अध्यक्षाच्यान वा त्या नात्यान कार्य करपी व्यक्तीच्यान, जशें आसत तशें ज्या खंयच्याय वांगड्याक हिंदींतल्यान वा इंग्लीशींतल्यान आपणाले विचार समुचीत रितीन उकतावंक येना आसतीत, ताका आपणाले मायभाशेंतल्यान सभाघराक लेखून भाशण करपाची अनुज्ञा दिवं येता.

(2) संसदेन कायद्या वरवीं हेर तरेन उपबंध केल्ले ना जाल्यार, ह्या संविधानाच्या आरंभा सावन पंदरा वर्सांचो कालावधी सोंपल्या उपरांत हो अनुच्छेद "वा इंग्लीशींतल्यान" हीं उतरां जशे परीं काडून उडयिल्लीं आसतीत ते प्रमाणें परिणामक जातलो.

**121. संसदेंतले चर्चेचेर निर्बंध.**—सर्वोच्च न्यायालयाच्या वा उच्च न्यायालयाच्या खंयच्याय न्यायाधिशान आपणालीं कर्तव्यां निभायतना केल्ले वागणुके खातीर हातूंत हे फुडें उपबंधीत केल्ले प्रमाणें त्या न्यायाधिशाक पदा वयल्यान कडेक काडपाची विनंती करपी समावेदन राष्ट्रपती मुखार दवरपाचो प्रस्ताव आयल्या बगर संसदेंत कसलीच चर्चा करूंक मेळची ना.

**122. न्यायालयांनी संसदेच्या कामकाजा विशीं चवकशी करिनासप.**—(1) कार्यपद्दतींत कसलीय तथाकथीत नेमा भायली बाब घडल्या ह्या कारणा वयल्यान संसदेंतल्या कसल्याच कामकाजाची कायदेशीरताय प्रस्नास्पद करूंक मेळची ना.

(2) संसदेंतले कार्यपद्दतीचें वा कामकाज चालनाचे विनेमन करपाचे वा संसदेंत सुवेवस्था राखपाचे अधिकार ह्या संविधाना वरवीं वा ताचे खाला जाचे ठांय निहीत केल्यात अशा, संसदेच्या खंयच्याय अधिकाऱ्यान वा वांगड्यान त्या अधिकाराच्या केल्ल्या वापरा विशीं तो खंयच्याच न्यायालयाचे न्यायाधिकारितायेक अधीन आसचो ना.

## प्रकरण III.—राष्ट्रपतीचे वैधानीक अधिकार

**123. संसदेच्या विरामकाळांत अध्यादेश प्रख्यापीत करपाचो राष्ट्रपतीचो अधिकार.**—(1) संसदेचीं दोनूय सभाघरां सत्रासीन आसतात तो काळ सोडून, हेर खंयच्याय वेळार, तात्काळ कारवाय करप गरजेचें आसा अशी परिस्थिती अस्तित्वांत आसा अशी राष्ट्रपतीची खात्री जाली जाल्यार, ताच्यान ते परिस्थिती प्रमाणें योग्य दिसत अशे अध्यादेश प्रख्यापीत करूं येत.

(2) ह्या अनुच्छेदा खाला प्रख्यापीत केल्लो अध्यादेश हो संसदेचो अधिनेम आसता ते प्रमाणें तितलोच प्रभावी आनी परिणामकारक आसतलो, मात असो दर एक अध्यादेश—

(क) संसदेच्या दोनूय सभाघरां मुखार दवरतले आनी संसदेची परतून सभा भरल्या उपरांत स सप्तकां सोंपना फुडें वा तो कालावधी सोंपचे पयलीं तो अमान्य करपी थाराव दोनूय सभाघरांनी पास केल्या जाल्यार, तातूंतलो दुसरो थाराव पास जायना फुडें तो अध्यादेश लागू आसपाचें बंद जातलें; आनी

(ख) राष्ट्रपतीच्यान खंयच्याय वेळार अध्यादेश फाटीं घेवं येता.

*फोडणिशी.*—जेन्ना संसदेच्या सभाघरांक परतून सभा घेवपा खातीर वेगळ्या-वेगळ्या तारखांक अभिनिमंत्रीत केल्लीं आसत तेन्ना, ह्या पोटकलमाच्या प्रयोजना खातीर, स सप्तकांचो कालावधी तातूंतले उपरांतचे तारखे सावन मेजतले.

(3) संसद ह्या संविधाना खाला जो उपबंध अधिनेमीत करपाक सक्षम ना असो कसलोच उपबंध ह्या अनुच्छेदा खालच्या अध्यादेशा वरवीं केलो जाल्यार आनी तितले मर्यादे मेरेन तो अध्यादेश शून्य आसतलो.

[1](4) * * * * *

## प्रकरण IV.—संघराज्याची न्यायपालिका

**124. सर्वोच्च न्यायालयाची स्थापना आनी घडण.**—(1) भारताचो मुख्य न्यायमुर्ती आनी संसद कायद्या वरवीं अदीक संख्या विहीत करीसर चडांत चड [*][सात] हेर न्यायाधीश मेळून घडिल्लें भारताचें एक सर्वोच्च न्यायालय आसतलें.

(2) सर्वोच्च न्यायालयाच्या दर एका न्यायाधिशाची नेमणूक राष्ट्रपती [2][अनुच्छेद 124क हातूंत उल्लेखीत राष्ट्रीय न्यायालयीन नेमणूक आयोगाचे शिफारसीन] आपले स्वाक्षरेन आनी शिक्क्यान आदेश काडून करतलो आनी तो न्यायाधीश पिरायेचीं पांसठ वर्सां जायसर तें पद सांबाळटलो:

[3][* * * * *]

[4][ताका शर्त अशी कीं]—

(क) न्यायाधीश, आपले स्वाक्षरेन, राष्ट्रपतीक लेखून बरोवन आपल्या पदाचो राजिनामो दिवंक शकतात;

(ख) पोटकलम (4)त उपबंध केल्ले पद्दतीन न्यायाधिशाक ताच्या पदा वयल्यान काडूं येत.

---

[1] संविधान (आठ्ठिसावो बदल) अधिनेम, 1975, कलम 2 (पूर्वलक्षी प्रभावान) वरवीं निविश्ट केलें आनी संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 16 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें.

* सर्वोच्च न्यायालया (न्यायधिशांची संख्या) बदल अधिनेम, 2019 (2019चो 37वो), कलम 2 वरवीं (9-8-2019 हे तारखे सावन लागू) आतां "तेत्तीस" घालें.

[2] संविधान (णव्याण्णवावो बदल) अधिनेम, 2014, कलम 2 (13-4-2015 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "ह्या कारणा खातीर राष्ट्रपतीक गरजेचें दिसत त्या सर्वोच्च न्यायालयाच्या आनी राज्यांच्या उच्च न्यायालयांच्या न्यायाधिशांचे मसलती उपरांत" हे सुवातेर घालें. हो बदल सर्वोच्च न्यायालयान, सुप्रीम कोर्ट एडवोकेद्व-ऑन-रिकॉर्ड असोसिएशन आनी आनीक एकलो आड भारतीय संघराज्य ह्या खटल्यांत 16-10-2015 तारखेच्या निकालान रद्द केलो, AIR 2016 SC 117.

[3] कित्तो- पयलें परंतूक, कलम 2 वरवीं काडलें. तें परंतूक अशें आशिल्लें:—

"मात, सर्वोच्च न्यायलयाचो सरन्यायाधीश सोडून कोणाय न्यायाधिशाचे नेमणुकेचे बाबतींत, भारताच्या सरन्यायाधिशाचो सल्लो सदांच घेतलेः" हो बदल सर्वोच्च न्यायालयान सुप्रीम कोर्ट एडवोकेद्व-ऑन-रिकॉर्ड असोसिएशन आनी आनीक एकलो आड भारतीय संघराज्य ह्या खटल्यांत 16-10-2015 तारखेच्या निकालान रद्द केलो, AIR 2016 SC 117.

[4] कित्तो- कलम 2 वरवीं "असो उपबंध करता कीं" हे सुवातेर घालें. हो बदल सर्वोच्च न्यायालयान सुप्रीम कोर्ट एडवोकेद्व-ऑन-रिकॉर्ड असोसिएशन आनी आनीक एकलो आड भारतीय संघराज्य ह्या खटल्यांत 16-10-2015 तारखेच्या निकालान रद्द केलो, AIR 2016 SC 117.

[1][(2क) सर्वोच्च न्यायालयाच्या न्यायाधिशाची पिराय, संसदेन केल्ल्या कायद्याच्या उपबंधा प्रमाणें, कायद्यान थारायिल्ली अधिकारिणी, थारावन दिल्ली पद्दत वापरून निश्चीत करतली.]

(3) कोणूय व्यक्ती भारताचो नागरीक आसा, आनी

(क) ती खंयच्याय उच्च न्यायालयाचो वा फाटोफाट अश्या दोन वा चड न्यायालयांचो उण्यांत उणीं पांच वर्सां न्यायाधीश आसा; वा

(ख) ती खंयच्याय उच्च न्यायालयांत वा फाटोफाट अश्या दोन वा चड न्यायालयांनी उण्यांत उणीं धा वर्सां अधिवक्तो आसा; वा

(ग) राष्ट्रपतीच्या मतान ती व्यक्ती विख्यात मिमांसक आसा,

अशें आसले बगर ती व्यक्ती सर्वोच्च न्यायालयाचो न्यायाधीश म्हूण नियुक्तेक पात्र आसची ना.

*फोडणिशी I.*—ह्या पोटकलमांत "उच्च न्यायालय" हाचो अर्थ, भारताच्या राज्यक्षेत्राच्या खंयच्याय भागांत जें न्यायाधिकारिताय वापरता वा ह्या संविधानाच्या आरंभा पयलीं खंयच्याय काळांत वापरतालें अशें उच्च न्यायालय असो आसा.

*फोडणिशी II.*—ह्या पोटकलमाच्या प्रयोजना खातीर, कोणूय व्यक्ती जितलो काळ अधिवक्तो आशिल्ली तो काळ मेजतना ती व्यक्ती अधिवक्तो जातकूच तिणें ज्या खंयच्याय कालावधींत जिल्लो न्यायाधिशाच्या पदा परस कनिश्ठ नाशिल्लें न्यायीक अधिकारपद धारण केलां तो कालावधी तातूंत आसपावीत करतले.

(4) शाबीत जाल्ली गैरवागणूक वा अक्षमताय ह्या कारणांक लागून सर्वोच्च न्यायालयाच्या न्यायाधिशाक ताच्या पदा वयल्यान कडेक काडपा खातीर, संसदेच्या दर एका सभाघरा कडल्यान त्या सभाघरांतले वट्ट वांगडी संख्येच्या भोवमताचो आनी त्या सभाघरांतल्या हाजीर आशिल्ल्या आनी मतदान करपी वांगड्यांच्या दोन-तृतियांशा परस उणे न्हय इतल्या भोवमताचो तेंको आशिल्लें समावेदन त्याच सत्रांत राष्ट्रपती मुखार दवरून उपरांत राष्ट्रपतीन आदेश काडल्या बगर त्या न्यायाधिशाक हे प्रमाणें कडेक काडचे नात.

(5) पोटकलम (4) खाला समावेदन सादर करप आनी कोणाय न्यायाधिशाची गैरवागणूक वा अक्षमताय हांचें अन्वेशण आनी शाबिती हांचे संबंदींचे कार्यपद्दतीचें संसदेच्यान कायद्या वरवीं विनेमन करूं येता.

(6) सर्वोच्च न्यायालयाचो न्यायाधीश म्हूण नियुक्त जाल्ली दर एक व्यक्ती, आपणालें पद ग्रहण करचे पयलीं, राष्ट्रपती मुखार सोपूत वा दृढकथन हांचे संबंदांत ताणें नियुक्त केल्ले कोणेय व्यक्ती मुखार, तिसरे अनुसुचींत त्या प्रयोजना खातीर घालून दिल्ल्या नमुन्या प्रमाणें सोपूत घेवन वा दृढकथन करून ताचे खाला निशाणी करतली.

(7) जिणें सर्वोच्च न्यायालयाच्या न्यायाधिशाचें पद धारण केल्लें आसा अशे कोणेय व्यक्तीक भारताच्या राज्यक्षेत्रांतल्या खंयच्याय न्यायालयांत वा खंयच्याय प्राधिकरणा मुखार वकिलीचें काम करूंक वा चलोवंक मेळचें ना.

[2]**[124क. राष्ट्रीय न्यायालयीन नियुक्ती आयोग.**—(1) राष्ट्रीय न्यायालयीन नियुक्ती आयोग, ह्या नांवाचो एक आयोग, मुखार दिल्यात तांचो, घडिल्लो आसतलो:—

---

[1] संविधान (पंदरावो बदल) अधिनेम, 1963, कलम 2 (5-10-1963 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[2] संविधान (णव्याण्णवावो बदल) अधिनेम, 2014, कलम 3 (13-4-2015 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें. हो बदल सर्वोच्च न्यायालयान सुप्रीम कोर्ट एडवोकेट्स-ऑन-रिकॉर्ड असोसिएशन आनी आनीक एकलो आड भारतीय संघराज्य ह्या खटल्यांत 16-10-2015 तारखेच्या निकालान रद्द केलो, AIR 2016 SC 117.

(क) भारताचो सरन्यायाधीश, अध्यक्ष, *पदसिद्ध*;

(ख) सरन्यायाधिशा फाटले सर्वोच्च न्यायालयाचे हेर दोन वरिश्ट न्यायाधीश - वांगडी, पदसिद्ध;

(ग) केंद्रीय कायदो आनी न्याय मंत्री - वांगडी, *पदसिद्ध*;

(घ) प्रधानमंत्री, भारताचो सरन्यायाधीश आनी लोकसभेंतलो विरोधी पक्ष फुडारी वा असो विरोधी पक्ष फुडारी नासत जाल्यार, लोकसभेंतल्या विरोधकांच्या सगल्यांत व्हडल्या पक्षाचो फुडारी - ह्या वांगड्यांचे घडिल्ले समितीन नेमीत केल्ल्यो दोन प्रख्यात व्यक्ती – वांगडी:

ताका शर्त अशी कीं, ह्या प्रख्यात व्यक्तीं मदली एक अनुसुचीत जाती, अनुसुचीत जमाती, हेर मागास वर्ग, अल्पसंख्यांक वा बायलो हांचे मदल्यान नेमीत आसची:

ताका आनीक शर्त अशी कीं, कोणूय प्रख्यात व्यक्ती तीन वर्सां खातीर नेमीत करतले आनी ती फेरनामांकनाक पात्र आसची ना.

(2) फकत त्या आयोगांत सुवात रिती आसप वा त्या आयोगाचे रचणुकेंत दोश आसप ह्या कारणांनी राष्ट्रीय न्यायालयीन नियुक्ती आयोगाचे खंयचेय कृतीचेर वा कामकाजाचेर प्रस्न विचारूंक वा ती अवैध थारावंक मेळची ना.

**124ख. आयोगाचीं कार्यां.**—राष्ट्रीय न्यायालयीन नियुक्ती आयोगाचें काम अशें आसतलें—

(क) भारताचो सरन्यायाधीश, सर्वोच्च न्यायालयाचे न्यायाधीश, उच्च न्यायालयांचे न्यायमुर्ती आनी उच्च न्यायालयांचे हेर न्यायाधीश ह्या पदांचेर नियुक्त्यां पासत व्यक्तींची शिफारस करप;

(ख) उच्च न्यायालयांचे न्यायमुर्ती आनी हेर न्यायाधीश हांची एका उच्च न्यायालयांतल्यान दुसऱ्या खंयच्याय उच्च न्यायालयांत बदलेची शिफारस करप; आनी

(ग) शिफारस केल्ली व्यक्ती सक्षम आनी प्रामाणीक आशिल्ल्याची खात्री करप.

**124ग. संसदेंत कायदो करपाचो अधिकार.**—संसदेच्यान, कायदो करून, भारताचो सरन्यायाधीश आनी सर्वोच्च न्यायालयाच्या हेर न्यायाधिशांच्या आनी उच्च न्यायालयांच्या मुख्य न्यायमुर्तींच्या आनी हेर न्यायाधिशांच्या नियुक्त्यां पासतचे कार्यपद्दतीचें विनेमन करूं येता आनी त्या आयोगाक ताचीं कार्यां करूंक नियमां वरवीं कार्यपद्दत थारावपाचे, नियुक्ते पासत व्यक्ती वेंचून काडपाची रीत आनी ताका गरजेचे दिसत त्या हेर विशयां संबंदांतले अधिकार दिवप.]

**125. न्यायाधिशांचें वेतन, आदी.**—[1][(1) सर्वोच्च न्यायालयाच्या न्यायाधिशांक संसदेन कायद्या वरवीं निर्धारीत केल्लीं अशीं वेतनां दितले आनी अशे तरेन ते संबंदींचो उपबंध करीतसर दुसरे अनुसुचींत विनिर्दिश्ट केल्यात ते प्रमाणें वेतनां दितले.]

(2) दर एक न्यायाधीश, संसदेन केल्ल्या कायद्या वरवीं वा त्या खाला वेळावेळार निर्धारीत करतले अशे विशेशाधिकार आनी भत्ते आनी गैरहाजिरी-रजा आनी पॅन्शन हांचे संबंदांतले अशे अधिकार हांचो, आनी हे प्रमाणें निर्धारीत करीसर दुसरे अनुसुचींत विनिर्दिश्ट केल्यात अशे विशेशाधिकार, भत्ते आनी अधिकार हांचो हकदार आसतलो:

---

[1] संविधान (चवपनावो बदल) अधिनेम, 1986, कलम 2 (1-4-1986 हे तारखे सावन लागू) वरवीं पोटकलम (1) हे सुवातेर घालें.

ताका शर्त अशी कीं, न्यायाधिशाचे विशेशाधिकार वा भत्ते वा गैरहाजिरी-रजा वा पॅन्शन हांचे विशींचे ताचे अधिकार हातूंतल्या कित्यांतूच ताका लुकसाणेचें जायत असो बदल ताचे नियुक्ते उपरांत करचे नात.

**126. कार्यकारी मुख्य न्यायमुर्तीची नियुक्ती**.—जेन्ना भारताच्या मुख्य न्यायमुर्तीचें पद रितें आसतलें वा मुख्य न्यायमुर्ती गैरहाजिरेच्या कारणाक लागून वा हेर तरेन आपणाल्या कर्तव्यांक पाळो दिवपाक असमर्थ आसतलो तेन्ना, त्या पदाचीं कर्तव्यां त्या न्यायालयाच्या हेर न्यायाधिशां मदल्या ज्या एकल्याची राष्ट्रपती त्या प्रयोजना खातीर नियुक्ती करतलो तो न्यायाधीश निभायतलो.

**127. तदर्थ न्यायाधिशांची नियुक्ती**.—(1) जर खंयच्याय वेळार सर्वोच्च न्यायालयांत सत्र घेवंक वा चलोवंक गणपुर्ती नासत, जाल्यार [1][राष्ट्रीय न्यायालयीन नियुक्ती आयोगाच्यान, भारताच्या राष्ट्रपतीचे पूर्वमान्यतायेन] संबंदीत उच्च न्यायालयाच्या मुख्य न्यायमुर्ती कडेन मसलत करून त्या न्यायालयाच्या कोणाय न्यायाधिशाक, तो भारताच्या सर्वोच्च न्यायालयाचो न्यायाधीश जावंक फावोशे योग्यतायेचो आसल्यार भारताच्या सरन्यायाधिशान ताका गरज आसा तितल्या काळा पुरतो, तदर्थ न्यायाधीश म्हूण नियुक्त करूंक, ताका सर्वोच्च न्यायालयाच्या बसकांक हाजीर रावंक लिखीत विनवणी करूं येता.

**(2)** हे प्रमाणें पदनिर्देशीत केल्ल्या न्यायाधिशाची हाजिरी ज्या वेळार आनी ज्या कालावधी मेरेन गरजेची अशें केल्लें आसत त्या वेळार आनी त्या कालावधी मेरेन आपणाल्या पदाच्या हेर कर्तव्यां परस अग्रक्रम दिवन सर्वोच्च न्यायालयाच्या बसकांक उपस्थीत रावप हें ताचें कर्तव्य आसतलें, आनी तो हे प्रमाणें हाजीर आसता तेन्ना ताका सर्वोच्च न्यायालयाच्या न्यायाधिशाची न्यायाधिकारिताय, अधिकार आनी विशेशाधिकार आसतले आनी तो ताचीं कर्तव्यां निभायतलो.

**128. निवृत्त न्यायाधिशांची सर्वोच्च न्यायालयाच्या बसकांक उपस्थिती**.—ह्या प्रकरणांत कितेंय आसलें तरी, [2]**[**हो राष्ट्रीय न्यायालयीन नेमणूक आयोग] राष्ट्रपतीचे पूर्वमान्यतायेन, खंयच्याय वेळार, सर्वोच्च न्यायालयाच्या वा संघीय न्यायालयाच्या न्यायाधीशपदार बशिल्ल्या [3][वा खंयच्याय उच्च न्यायालयाच्या न्यायाधीशपदार बशिल्ल्या सर्वोच्च न्यायालयाचो न्यायाधीश म्हूण नेमणुकेक फावोशी योग्यताय आशिल्ल्या] कोणाकूय सर्वोच्च न्यायालयाचो न्यायाधीश म्हूण बसूंक आनी काम करूंक विनवणी करूंक शकता, आनी अशी विनवणी केल्ल्या दर एका न्यायाधिशाक, असो बसतना आनी काम करतना, तो राष्ट्रपतीन आदेश काडून निश्चीत केल्ल्या अशा भत्त्यांचो हकदार आसतलो, आनी त्या न्यायालयाच्या न्यायाधिशाक आशिल्ल्यो सगल्यो कार्यकक्षा, अधिकार आनी विशेशाधिकार ताका आसतले, पूण, तो हेर भशेन त्या न्यायालयाचो न्यायाधीश अशें मानचे नात:

---

[1] संविधान (णव्याण्णवावो बदल) अधिनेम, 2014, कलम 4 (13-4-2015 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "भारताचो सरन्यायाधीश, राष्ट्रपतीचे पूर्वसंमतीन" हे सुवातेर घालें. हो बदल सर्वोच्च न्यायालयान सुप्रीम कोर्ट एडवोकेट्स-ऑन-रिकॉर्ड असोसिएशन आनी आनीक एकलो आड भारतीय संघराज्य ह्या खटल्यांत 16-10-2015 तारखेच्या निकालान रद्द केलो, AIR 2016 SC 117.

[2] कित्तो- कलम 5 (13-4-2015 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "भारताचो सरन्यायाधीश" हे सुवातेर घालें. हो बदल सर्वोच्च न्यायालयान सुप्रीम कोर्ट एडवोकेट्स-ऑन-रिकॉर्ड असोसिएशन आनी आनीक एकलो आड भारतीय संघराज्य ह्या खटल्यांत 16-10-2015 तारखेच्या निकालान रद्द केलो. AIR 2016 SC 117.

[3] संविधान (पंदरावो बदल) अधिनेम, 1963, कलम 3 (5-10-1963 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

ताका शर्त अशी कीं, त्या न्यायालयाचो न्यायाधीश म्हूण ते सुवातेर बसून कार्य चलोवपाक वयर सांगलां अशे खंयचेय व्यक्तीन संमती दिल्ली आसले बगर, ह्या अनुच्छेदांतले खंयचेच बाबीक लागून तिका तशें करप सक्तीचें आसा अशें मानचे नात.

**129. सर्वोच्च न्यायालय हें अभिलेख न्यायालय आसप.**—सर्वोच्च न्यायालय हें अभिलेख न्यायालय आसतलें आनी ताका आपणाल्या अवमाना खातीर ख्यास्त करपाच्या अधिकारा सयत अश्या न्यायालयाचे सगले अधिकार आसतले.

**130. सर्वोच्च न्यायालयाचें कार्यस्थान.**—सर्वोच्च न्यायालय दिल्लींत बसतलें, वा मुख्य न्यायमुर्ती, राष्ट्रपतीचे मान्यतायेन वेळावेळार नेमून दीत अशे हेर एके सुवातेर वा चड सुवातांचेर सत्रासीन जातलें.

**131. सर्वोच्च न्यायालयाची मूळ न्यायाधिकारिताय.**—ह्या संविधानाच्या उपबंधांचे अधीनतायेन—

(क) भारत सरकार आनी एक वा अदीक राज्यां हांचे मदल्या; वा

(ख) एके वटेन भारत सरकार आनी खंयचेंय राज्य वा राज्यां, हांचे मदल्या; वा

(ग) दोन वा अदीक राज्यां मदल्या,

कसल्याय तंट्यांत जाचेर खंयच्याय कायदेशीर अधिकाराचें अस्तित्व वा व्याप्ती अवलंबून आसा असो कसलोय प्रस्न (मागीर तो कायद्या विशीं आसूं वा तथ्यां विशीं आसूं) आसपावीत आसत जाल्यार आनी तितले मेरेन, त्या तंट्यांत सर्वोच्च न्यायालयाक मूळ न्यायाधिकारिताय आसतली तशी आनी हेर खंयच्याच न्यायालयाक आसची ना:

[1][ताका शर्त अशी कीं, खंयचीय कबलात, करार, प्रसंविदा, वचनबद्धताय, सनद वा हेर तत्सम संलेख ह्या संविधानाच्या आरंभा पयलीं केल्लो आसत आनी तो निश्पादीत जावन अशा आरंभा उपरांत लागू उरला आसत वा तातूंतल्यान उप्रासपी तंटो वयले अधिकारितायेचे व्याप्तेंत येवचो ना असो तातूंत उपबंध केल्लो आसत जाल्यार, असलो तंटो वयले अधिकारितायेचे व्याप्तेंत येवचो ना.]

[2][**131क.** *केंद्रीय कायद्यांचे संविधानीक वैधते लागीं संबंदीत प्रस्नां विशीं सर्वोच्च न्यायालयाची अनन्य अधिकारिताय.*]**.**—*संविधान (त्रेचाळिसावो बदल) अधिनेम,* 1977, *कलम* 4 (13-4-1978 *हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें.*

**132. विशिश्ट प्रकरणांनी उच्च न्यायालयांतल्या अपिलांनी सर्वोच्च न्यायालयाची अपील अधिकारिताय.**—(1) भारताच्या राज्यक्षेत्रांतल्या उच्च न्यायालयाचो खंयचोय न्यायनिर्णय, हुकूमनामो वा निमाणो आदेश मागीर तो दिवाणी, फौजदारी वा हेर कारवायेंतलो आसूं, ताचेर त्या उच्च न्यायालयान त्या प्रकरणांत ह्या संविधानाचो अर्थ लावपा संबंदीं सार आसपावीत करपी कायद्याचो प्रस्न घेतला अशें [3][अनुच्छेद 134क खाला प्रमाणीत केल्यार] सर्वोच्च न्यायालया कडेन अपील जावं येता.

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 5 (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं परंतुकाची सुवातेर घालें.

[2] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 23 (1-2-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[3] संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 17 (1-8-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "उच्च न्यायालयान प्रमाणीत केलें जाल्यार" हे सुवातेर घालें.

[1](2) * * * * *

(3) अशें प्रमाणपत्र दिलां आसत [2]*** ते संबंदांत, पयलीं सांगलां असल्या खंयच्याय प्रस्नाचेर चुकीचो निर्णय दिल्लो ह्या कारणा वयल्यान [2]*** त्या प्रकरणांतल्या खंयच्याय पक्षकाराच्यान सर्वोच्च न्यायालयाकडेन अपील करूं येता.

*फोडणिशी.*—ह्या अनुच्छेदांच्या प्रयोजना खातीर "निमाणो आदेश" हे अभिव्यक्तींत, अपीलकर्त्याचे वटेन निर्णीत जाल्यार जो विवादीत मुद्दो तें प्रकरण निकालांत काडपाक पुरो असो जायत ताचो निर्णय करपी आदेशाचो आसपाव आसा.

**133. दिवाणी प्रकरणां विशीं उच्च न्यायालयां वयल्या अपिलांनी सर्वोच्च न्यायालयाची अपील अधिकारिताय.**—[3][(1) भारताच्या राज्यक्षेत्रांतल्या खंयच्याय उच्च न्यायालयाचो दिवाणी कारवायेंतलो खंयचोय न्यायनिर्णय, हुकूमनामो वा निमाणो आदेश हाचेर, [4][जर त्या उच्च न्यायालयान अनुच्छेद 134क खाला] अशें प्रमाणीत केलें की,

(क) त्या प्रकरणांत कसलोय सर्वसादारण म्हत्वाचो सार आसपावीत करपी कायद्याचो प्रस्न आयला; आनी

(ख) उच्च न्यायालयाच्या मतान वयर सांगला तो प्रस्न सर्वोच्च न्यायालयान न्यायनिर्णीत करप गरजेचें आसा जाल्यार सर्वोच्च न्यायालया कडेन अपील करूं येता.]

(2) अनुच्छेद 132त कितेंय आसलें तरी, पोटकलम (1) खाला सर्वोच्च न्यायालया कडेन अपील करपी खंयच्याय पक्षकाराक ह्या संविधानाच्या निर्वाचना संबंदीं कसलोय सार आसपावीत आशिल्ल्या कायद्याच्या प्रस्नाचेर चुकीचो निर्णय जाला अशें कारण अपिलाच्या कारणांतलें एक म्हूण मांडूं येता.

(3) ह्या अनुच्छेदांत कितेंय आसलें तरी, संसदेन कायद्या वरवीं हेर कसलोय उपबंध केल्लो नासल्यार, उच्च न्यायालयाच्या एका न्यायाधिशाचो न्यायनिर्णय, हुकूमनामो वा निमाणो आदेश हाचेर सर्वोच्च न्यायालया कडेन कसलेंच अपील करूं नजो.

**134. फौजदारी प्रकरणां विशीं सर्वोच्च न्यायालयाची अपील अधिकारिताय.**—(1) भारताच्या राज्यक्षेत्रांतल्या खंयच्याय उच्च न्यायालयाचो फौजदारी कारवायेंतलो कसलोय न्यायनिर्णय, निमाणो आदेश वा शिक्षादेश हाचेर, जर त्या उच्च न्यायालयान—

(क) आरोपी व्यक्तीचे दोशमुक्तीचो आदेश अपिला अंतीं घुंवडायला आसत आनी तिका मरणाची ख्यास्त दिल्या आसत जाल्यार; वा

(ख) कसलेंय प्रकरण आपणाले अखत्यारे खाला आशिल्ल्या खंयच्याय दुय्यम न्यायालयांतल्यान काडून स्वता कडेन संपरिक्षे खातीर घेतलां आसत आनी अशे संपरिक्षेंत आरोपी व्यक्तीक गुन्यांवकार थारावन मरणाची ख्यास्त दिल्ली आसत जाल्यार; वा

(ग) तें प्रकरण सर्वोच्च न्यायालया कडेन अपील करपाक फावोशें आसा अशें [5][अनुच्छेद 134क खाला] प्रमाणीत केल्लें आसत जाल्यार, सर्वोच्च न्यायालया कडेन अपील करूं येता:

---

[1] संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 17 (1-8-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "उच्च न्यायालयान प्रमाणीत केलें जाल्यार" हे सुवातेर पोटकलम (2) काडलें.

[2] कित्तो- कलम 17, (1-8-1979 सावन) वरवीं विशिश्ट उतरां काडलीं.

[3] संविधान (तिसावो बदल) अधिनेम, 1972, कलम 2 (27-2-1973 हे तारखे सावन लागू) वरवीं पोटकलम (1) हे सुवातेर घालें.

[4] संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 18 (1-8-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "उच्च न्यायालयान प्रमाणीत केलें जाल्यार" हे सुवातेर घालें.

[5] कित्तो- कलम 19 (1-8-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "प्रमाणीत करीत जाल्यार" हे सुवातेर घालें.

ताका शर्त अशी कीं, उप-पोटकलम (ग) खालचें अपील अनुच्छेद 145च्या उप-पोटकलम (1) खाला त्या संबंदांत करतले अशा उपबंधांचे आनी उच्च न्यायालय प्रस्थापीत करतलें वा गरजेच्यो करतलें अश्या अटींचे अधीन उरतलें.

(2) संसदेच्यान कायद्या वरवीं सर्वोच्च न्यायालयाक, अशा कायद्यांत विनिर्दिश्ट करतले अश्या अटींचे आनी मर्यादां अधीनतायेन, भारताच्या राज्यक्षेत्रांतल्या उच्च न्यायालयाचो फौजदारी कारवायेंतलो खंयचोय न्यायनिर्णय, निमाणो आदेश वा शिक्षादेश हांचे वयलीं अपिलां विचारार्थ स्विकारून तांची सुनावणी करपा खातीर आनीक कसलेय अधिकार प्रदान करूं येतात.

[1][**134क. सर्वोच्च न्यायालया कडेन अपील करपा खातीर प्रमाणपत्र.**—अनुच्छेद 132 पोटकलम (1) वा अनुच्छेद 133 पोटकलम (1) वा अनुच्छेद 134 पोटकलम (1) हातूंत निर्दिश्ट केल्ले प्रमाणें न्यायनिर्णय, हुकूमनामो, निमाणो आदेश वा शिक्षादेश दिवपी वा करपी दर एका उच्च न्यायालयाक, ताणें असो न्यायनिर्णय, हुकूमनामो, निमाणो आदेश वा शिक्षादेश दिल्या उपरांत वा केल्या उपरांत जाता तितले बेगीन, अनुच्छेद 132चें पोटकलम (1) वा अनुच्छेद 133 पोटकलम (1) वा जशें आसत तशें, अनुच्छेद 134 चें पोटकलम (1) उप-पोटकलम (ग) हातूंत निर्देशिल्ल्या स्वरुपाचें प्रमाणपत्र त्या प्रकरणाच्या संबंदांत दिवचें काय कितें ह्या प्रस्नाचेर—

(क) ताका तशें योग्य अशें दिसल्यार आपूण जावन निर्णय दिवं येता; आनी

(ख) वयर सांगला असो न्यायनिर्णय, हुकूमनामो, निमाणो आदेश वा शिक्षादेश दिवप वा करप जाल्या उपरांत रोखडोच, ताका लागून नाराज जाल्ल्या पक्षकारा कडल्यान वा ताचे वतीन तोंडी अर्ज केलो जाल्यार, निर्णय दिवचो पडटलो.]

**135. फॅडरल न्यायालयाची अस्तित्वांत आशिल्ल्या कायद्या खालची अधिकारिताय आनी अधिकार सर्वोच्च न्यायालयान वापरप.**—संसद कायद्या वरवीं वा दुसरे तरेन उपबंध करीसर, जिका अनुच्छेद 133च्या वा अनुच्छेद 134च्या उपबंधांक लागू जायना अशे कसलेय बाबी विशींची अधिकारिताय आनी कायद्याधिकार ह्या संविधानाच्या आरंभाच्या निकटपूर्व खंयच्याय अस्तित्वांत आशिल्ल्या कायद्या खाला फॅडरल न्यायालयाच्यान वापरूं येतात अशें आशिल्लें जायत जाल्यार, ते बाबी विशींची अधिकारिताय आनी अधिकार सर्वोच्च न्यायालयाकूय आसतले.

**136. अपील करपा खातीर सर्वोच्च न्यायालया कडल्यान खाशेली अनुमती.**—(1) ह्या प्रकरणांत कितेंय आसलें तरी, सर्वोच्च न्यायालयाच्यान आपले बुद्दीन भारताच्या राज्यक्षेत्रांतल्या खंयच्याय न्यायालयान वा अधिकरणान कसल्याय खटल्यांत वा प्रकरणांत दिल्लो वा केल्लो न्यायनिर्णय, हुकूमनामो, निर्धारण, शिक्षादेश वा आदेश हांचेर अपील करपाक विशेश अनुमती दिवं येता.

(2) सशस्त्र दळां संबंदींच्या खंयच्याय कायद्या वरवीं वा ताचे खाला घडण केल्ल्या खंयच्याय न्यायालयान वा अधिकरणान दिल्लो वा केल्लो कसलोय न्यायनिर्णय, निर्धारण, शिक्षादेश वा आदेश हांकां पोटकलम (1)तली खंयचीच बाब लागू जावची ना.

**137. न्यायनिर्णय वा आदेश हांचो सर्वोच्च न्यायालया कडल्यान फेरनियाळ.**—संसदेन केल्ल्या खंयच्याय कायद्याचे उपबंध वा अनुच्छेद 145 खाला केल्ल्या खंयच्याय नेमांचे अधीनतायेन सर्वोच्च न्यायालयाक ताणें अधिघोशीत केल्लो खंयचोय न्यायनिर्णय वा दिल्लो आदेश हांचो फेरनियाळ करपाचो अधिकार आसतलो.

---

[1] संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 20 (1-8-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

**138. सर्वोच्च न्यायालयाचे अधिकारितायेचो विस्तार करप.**—(1) सर्वोच्च न्यायालयाक संघराज्य वळेरेंत आशिल्ल्यांतल्या कसल्याय बाबीं संबंदीं कायद्या वरवीं प्रदान करीत ते प्रमाणें आनीक अधिकारिताय आनी अधिकार आसतले.

(2) खंयचेय बाबी संबंदीं भारत सरकार आनी खंयच्याय राज्याचें सरकार खाशेल्या करारा वरवीं प्रदान करतलें अशी अधिकारिताय आनी अशे अधिकार हांचो वापर सर्वोच्च न्यायालयान करचो अशी संसदेन कायद्या वरवीं उपबंध केल्यार, सर्वोच्च न्यायालयाक ते प्रमाणें अशी आनीक अधिकारिताय आनी अशे अधिकार मेळटले.

**139. विशिश्ट रिट (प्राधिलेख) काडपाच्या अधिकारांचें सर्वोच्च न्यायालयाक प्रदान.**—संसदेच्यान कायद्या वरवीं अनुच्छेद 32च्या पोटकलम (2)त उल्लेखिल्ल्यां परस हेर कसल्याय प्रयोजनां खातीर निदेश, आदेश वा *हेबियस कॉर्पस (देहोपस्थिती)*, *मांदामुस (महादेश)*, प्रोहिबिशन (प्रतिबंध), *को वॉरण्टो (क्वाधिकार) आनी सेर्शियोराराय (प्राकर्शण)* हांचे सयत ह्या स्वरुपाचे वा तांचे भितरले खंयचेय रिट हांचे भायरूय रिट जारी करपाचो अधिकार सर्वोच्च न्यायालयाक प्रदान करूं येता.

[1][**139क. विशिश्ट प्रकरणांचें अंतरण.**—[2][(1) जर सर्वोच्च न्यायालय आनी एक वा अदीक उच्च न्यायालयां हांचे मुखार वा दोन वा अदीक उच्च न्यायालयां मुखार एक सारकेच वा सार स्वरुपा संबंदांत सारकेच कायद्याचे प्रस्न आसपावीत आशिल्लीं प्रकरणां प्रलंबीत आसतीत आनी अशे प्रस्न हे सर्वसादारण म्हत्वाचे अशे सारस्वरुपांतले प्रस्न आसात अशी सर्वोच्च न्यायालयाची आपले आपुणूच वा भारताचो महा-न्यायवादी हाची वा अश्या प्रकरणांतल्या खंयच्याय पक्षकारान अर्ज केल्ल्यान खात्री जाली जाल्यार, सर्वोच्च न्यायालयाच्यान त्या उच्च न्यायालया मुखार वा उच्च न्यायालयां मुखार प्रलंबीत आशिल्लें प्रकरण वा प्रकरणां काडून घेवन त्या सगल्या प्रकरणांचो स्वताच निर्णय करूं येता:

ताका शर्त अशी कीं, वयर सांगलां त्या कायद्याच्या प्रस्नांचो निर्णय केल्या उपरांत सर्वोच्च न्यायालयाच्यान अशे रितीन काडून घेतिल्लें खंयचेंय प्रकरण अशा प्रस्नां वयल्या ताच्या न्यायनिर्णयाचे प्रती सयत, ज्या उच्च न्यायालया कडल्यान तें प्रकरण काडून घेतलें आसत त्या उच्च न्यायालया कडेन परतें धाडूं येता, आनी तें मेळ्ळ्यार उपरांत तें उच्च न्यायालय तें प्रकरण अशा न्याय निर्णया प्रमाणें निकालांत काडपाची कारवाय करतलें.]

(2) खंयच्याय उच्च न्यायालया मुखार प्रलंबीत आशिल्लें कसलेंय प्रकरण अपील वा हेर कारवाय न्यायाचीं उद्दिश्टां सादपा खातीर हेर खंयच्याय उच्च न्यायालया कडेन अंतरीत करप हें समयोचीत आसा अशें सर्वोच्च न्यायालयाक दिसल्यार, ताच्यान तशें करूं येता.]

**140. सर्वोच्च न्यायालयाचे अनुशंगीक अधिकार.**—सर्वोच्च न्यायालयाक ह्या संविधाना वरवीं वा ताचे खाला प्रदान केल्ले अधिकारितायेचो ताका चड परिणामकारक रितीन वापर करपाक मेळचो हे खातीर गरजेचें वा समयोचीत दिसतले आनी ह्या संविधानांत आशिल्ल्यांतल्या खंयच्याच उपबंधा कडेन विसंगत नासतले अशे पुरक अधिकार सर्वोच्च न्यायालयाक प्रदान करपा खातीर संसदेच्यान कायद्या वरवीं उपबंध करूं येता.

---

[1] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 24 (1-2-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[2] संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 21 (1-8-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं पोटकलम (1) हे सुवातेर घालें.

**141. सर्वोच्च न्यायालयान घोशीत केल्लो कायदो सगल्या न्यायालयांचेर बंधनकारक आसप.**—सर्वोच्च न्यायालयान घोशीत केल्लो कायदो भारताच्या राज्यक्षेत्रांतल्या सगल्या न्यायालयांचेर बंधनकारक आसतलो.

**142. सर्वोच्च न्यायालयाचे हुकूमनामे आनी आदेश हांची बजावणी, आनी प्रकटीकरण, आदी हांच्या संबंदांत आदेश.**—(1) सर्वोच्च न्यायालयाच्यान आपणाले अधिकारितायेचो वापर करता आसतना ताचे मुखार प्रलंबीत आशिल्ल्या कसल्याय खटल्यांत वा बाबींत पूर्ण न्याय करपा खातीर गरजेचो आसत असो हुकूमनामो करूं येता वा आदेश दिवं येता आनी हे प्रमाणें केल्लो कसलोय हुकूमनामो वा दिल्लो आदेश संसदेन केल्ल्या खंयच्याय कायद्या वरवीं वा ताचे खाला विहीत करतले अशे रितीन आनी ते संबंदांत अशे तरेन उपबंध करीसर, राष्ट्रपती [1]आदेशा वरवीं विहीत करतलो अशे रितीन भारताच्या राज्यक्षेत्रांत सगल्याक बजावणे योग्य आसतली.

(2) संसदेन हे संबंदांत केल्ल्या खंयच्याय कायद्याच्या उपबंधांचे अधीनतायेन, कोणूय व्यक्ती हाजीर जातली, कसल्याय दस्तावेजांचें प्रकटीकरण जातलें आनी तें हाजीर करतले अशी खात्रीलायक तजवीज करपाच्या वा आपणाल्या कसल्याय अवमाना संबंदांत सोद तपास करपाच्या वा ताचे विशीं ख्यास्त दिवपाच्या प्रयोजना खातीर कसलोय आदेश करपाचो सर्वोच्च न्यायालयाक भारताच्या संपूर्ण राज्यक्षेत्रा खातीर सरसकट अधिकार आसतलो.

**143. सर्वोच्च न्यायालयाचो विचार घेवपाचो राष्ट्रपतीचो अधिकार.**—(1) जाचेर सर्वोच्च न्यायालयाचें मत मेळोवप फायद्याचें आसा अशा स्वरुपाचो आनी इतल्या भौशीक म्हत्वाचो कायद्या विशींचो वा तथ्यविशयक प्रस्न उप्रासला वा उप्रासपाचो संभव आसा अशें खंयच्याय वेळार राष्ट्रपतीक दिसल्यार, ताका तो प्रस्न त्या न्यायालया कडेन विचारा खातीर प्रस्तूत करूंक मेळटलो आनी त्या न्यायालयाच्यान आपणाक योग्य दिसत अशे सुनावणे उपरांत ताचे वयलें आपणालें मत राष्ट्रपतीक कळोवं येता.

(2) अनुच्छेद 131 [2]***च्या परंतुकांत कितेंय आसलें तरीय [3][वयल्या परंतुकांत उल्लेखिल्ले तरेचो वाद] राष्ट्रपतीच्यान सर्वोच्च न्यायालया कडेन मता खातीर प्रस्तूत करूं येता आनी सर्वोच्च न्यायालय आपणाक योग्य दिसत अशे सुनावणे उपरांत ताचे वयलें आपणालें मत राष्ट्रपतीक कळयतलें.

**144. दिवाणी आनी न्यायीक प्राधिकरणांनी सर्वोच्च न्यायालयाच्या सहाय्या खातीर कार्य करप.**—भारताच्या राज्यक्षेत्रांतलीं सगलीं दिवाणी आनी न्यायीक प्राधिकरणां सर्वोच्च न्यायालयाच्या सहाय्या खातीर कार्य करतलीं.

[4][**144क.** [*कायद्याचे घटनात्मक वैधते संबंदान प्रस्न निकालांत काडपा खातीर खाशेले उपबंध.*]**.**—*संविधान (त्रेचाळिसावो बदल) अधिनेम,* 1977, *कलम* 5 (13-4-1978 *हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें.*]

**145. न्यायालयाचे नेम, आदी.**—(1) संसदेन केल्ल्या खंयच्याय कायद्याच्या उपबंधांचे अधीनतायेन सर्वोच्च न्यायालयाच्यान वेळावेळार राष्ट्रपतीचे मान्यतायेन त्या न्यायालयाची प्रथा आनी कार्यपद्धत हांचें सर्वसादारणपणान विनेमन करपा खातीर, फुडल्या प्रकाराच्या नेमाक आसपावपी नेम करूं येतात—

(क) त्या न्यायालयांत वेवसाय करपी व्यक्तीं संबंदांतले नेम;

---

[1] सर्वोच्च न्यायालय (डिक्री आनी आदेश) प्रवर्तन आदेश, 1954 (c.o. 47) पळोवचें.

[2] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पोटकलम (i)चें" हीं उतरां, कंस आनी आंकडो काडलो.

[3] कित्तो- कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "वयलें पोटकलम" हे सुवातेर घालें.

[4] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 25 (1-2-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

(ख) अपिलांचे सुनावणे खातीर आपणावपाची कार्यपद्दत आनी कितल्या अवधी भितर अपिलां न्यायालयांत दाखल करपाची तांचे सयत अपिलां कडेन संबंदीत आशिल्ल्या हेर बाबीं संबंदींचे नेम;

(ग) भाग III वरवीं प्रदान केल्ल्यांतल्या खंयच्याय अधिकाराची बजावणी करपा खातीर त्या न्यायालयांत करपाचे कारवाये संबंदींचे नेम;

[1][(गग) [2][अनुच्छेद 139क] हाचे खाला त्या न्यायालयांत करपाचे कारवाये संबंदींचे नेम;]

(घ) अनुच्छेद 134च्या पोटकलम (1)च्या उप-पोटकलम (ग) खाला अपिलां विचारा खातीर स्विकारपा संबंदींचे नेम;

(ङ) त्या न्यायालयान अधिघोशीत केल्ल्या खंयच्याय न्यायनिर्णयांची वा केल्ल्या आदेशांची जांचे अधीनतायेन फेरतपासणी करूं येता त्यो अटी आनी अशे फेरतपासणे खातीरचे कार्यपद्दती संबंदींचे नेम;

(च) त्या न्यायालयांतले खंयचेय कारवायेच्या आनी अनुशंगीक खर्चा संबंदीं आनी तातूंतले कारवाये संबंदीं लावपाचे फी संबंदींचे नेम;

(छ) जामिनादेश दिवपा संबंदींचे नेम;

(ज) कारवाय स्थगिते संबंदींचे नेम;

(झ) त्या न्यायालयाक जें अपील तुच्छ कारणा खातीर वा त्रास दिवपाच्या हेतान केलां अशें, वा कळाव लावपाच्या प्रयोजना खातीर हाडलां अशें दिसून येतलें अश्या कसल्याय अपिलाचो संक्षिप्त रितीन निकाल करपा विशीं उपबंध करपी नेम;

(ञ) अनुच्छेद 317च्या पोटकलम (1) हातूंत प्रस्तूत केल्ले चवकश्यांचे कार्यपद्दती संबंदींचे नेम.

(2) [3][[4]***पोटकलम (3)च्या उपबंधाचे] अधीनतायेन, ह्या अनुच्छेदा खाला केल्ल्या नेमां वरवीं, कितल्या न्यायाधिशांनी कसल्याय प्रयोजना खातीर पिठासीन जावचें ती उण्यांत उणी संख्या थारावं येता आनी एकोडे काम चलोवपी न्यायाधिशांच्या आनी खंडपिठांच्या अधिकारा संबंदीं उपबंध करूं येतात.

(3) जातूंत ह्या संविधानाचो अर्थ लावपा संबंदीं कसलोय सार स्वरुपाचो कायद्याचो प्रस्न आसपावला आसत अश्या कसल्याय प्रकरणाचो निर्णय करपाच्या प्रयोजना खातीर वा अनुच्छेद 143 खाला प्रस्तूत केल्ल्या प्रकरणाचे सुनावणेच्या प्रयोजना खातीर कितले संख्येन न्यायाधिशांनी पिठासीन जावपाचें ती [5][[4]***उण्यांत उणी संख्या] पांच आसतली:

---

[1] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 26 (1-2-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[2] संविधान (त्रेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1977, कलम 6 (13-4-1978 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "अनुच्छेद 131क आनी 139क" हे सुवातेर घालें.

[3] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 26 (1-2-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पोटकलम (3)चे उपबंध" हे सुवातेर घालें.

[4] संविधान (त्रेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1977, कलम 6 (13-4-1978 हे तारखे सावन लागू) वरवीं विशिश्ट उतरां काडलीं.

[5] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 26 (1-2-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "उण्यांत उणी संख्या" हे सुवातेर घालें.

ताका शर्त अशी कीं, जेन्ना ह्या प्रकरणाच्या अनुच्छेद 132 सोडून खंयच्याय उपबंधा खाला अपिलाची सुनावणी करपी न्यायालय पांचां परस उण्या न्यायाधिशांचें घडिल्लें आसतलें आनी त्या अपिलाचे सुनावणेच्या ओगांत, तें अपील निकालांत काडपा खातीर जाचें निर्धारण गरजेचें आसा असो ह्या संविधानाचो अर्थ लावपा संबंदीं कसलोय सार स्वरुपाचो कायदेविशयक प्रस्न अपिलांत आसपावीत आसा अशी हे संबंदीं न्यायालयाची खात्री जातली तेन्ना अशें न्यायालय जातूंत असो प्रस्न आसपावीत आसा त्या प्रकरणाचो निर्णय करपा खातीर ह्या पोटकलमान गरजेचें केल्ल्या प्रमाणें घडण जाल्ल्या न्यायालया कडेन असो प्रस्न मता खातीर प्रस्तूत करतलें आनी तें मत मेळटकूच अश्या मता प्रमाणें तें अपील निकालांत काडटले.

(4) सर्वोच्च न्यायालय उकत्या न्यायालयांत सुनावणी केल्या बगर कसलोच न्यायनिर्णय दिवचें ना आनी खंयचेंय मत उकत्या न्यायालयांत दिल्लें आसल्या बगर तें अनुच्छेद 143 खाला ते प्रमाणें कळोवचे नात.

(5) सर्वोच्च न्यायालय कसलोच न्यायनिर्णय वा अशें खंयचेंच मत प्रकरणाचे सुनावणेच्या वेळार हाजीर आशिल्ल्या न्यायाधिशांतल्या भोवसंख्यांचे सहमती बगर दिवचें ना. पूण जो सहमत ना अशा न्यायाधिशाक वेगळो न्यायनिर्णय वा मत दिवपाक ह्या पोटकलमांतली खंयचीच बाब प्रतिबंधक आसा अशें मानचे नात.

**146. सर्वोच्च न्यायालयाचे अधिकारी आनी सेवक आनी खर्च.**—(1) सर्वोच्च न्यायालयाचे अधिकारी आनी सेवक हांच्यो नेमणुको भारताचो मुख्य न्यायमुर्ती वा तो निर्देशीत करतलो असो त्या न्यायालयाचो हेर कोणूय न्यायाधीश वा अधिकारी हांचे कडल्यान जातल्यो:

ताका शर्त अशी कीं, राष्ट्रपतीच्यान नेमां वरवीं अशें गरजेचें करूं येता कीं, त्या नेमांत विनिर्दिश्ट करतले अशा बाबींनी, त्या न्यायालयाच्यान पयलीं सावन संलग्न नाशिल्ले कोणेय व्यक्तीक त्या न्यायालया कडेन संबंदीत आशिल्ल्या कसल्याय पदाचेर संघ लोकसेवा आयोगाचो विचार घेतल्या बगर नेमणूक करची न्हय.

(2) संसदेन केल्ल्या खंयच्याय कायद्याच्या उपबंधाचे अधीनतायेन, सर्वोच्च न्यायालयाचे अधिकारी आनी सेवक हांच्यो सेवा-अटी भारताच्या मुख्य न्यायमुर्तीन वा ताणें त्या प्रयोजना खातीर नेम करचे पासत प्राधिकृत केल्ल्या त्या न्यायालयाच्या दुसऱ्या कोणाय न्यायाधिशान वा अधिकाऱ्यान केल्ल्या नेमां वरवीं विहीत करतले अश्यो आसतल्यो:

ताका शर्त अशी कीं, ह्या पोटकलमा खाला केल्ल्या नेमांक जितले मेरेन ते वेतनां, भत्ते, रजा वा पॅन्शनां हांचे कडेन संबंदीत आसतले तितले मेरेन, राष्ट्रपतीची मान्यताय गरजेची आसतली.

(3) सर्वोच्च न्यायालयाचे अधिकारी आनी सेवक हांकां वा तांचे संबंदांत दिवपाचीं सगलीं वेतनां, भत्ते आनी पॅन्शनां हांचे सयत त्या न्यायालयाचो प्रशासकी खर्च भारताच्या एकवटीत निधीचेर प्रभारीत करतले आनी त्या न्यायालयान घेतिल्ली कसलीय फी वा हेर दुडू त्या निधीचोच भाग जातलो.

**147. अर्थावणी.**—ह्या प्रकरणांत आनी प्रकरण Vच्या भाग VI हातूंत, ह्या संविधानाचो अर्थ लावपाचे संबंदींच्या खंयच्याय सार रुपांतल्या कायद्याच्या प्रस्नाच्या निर्देशां मदीं गव्हर्नमॅण्ट ऑफ इण्डिया ऍक्ट, 1935 (त्या अधिनेमांत बदल करपी वा ताका पुरक आशिल्ली खंयचीय अधिनियमिती लेगीत) वा ते खाला केल्ली खंयचीय ऑर्डर इन कावन्सील वा आदेश वा इण्डियन इण्डिपॅण्डॅन्स ऍक्ट, 1947 वा ते खाला केल्लो खंयचोय आदेश हांचो अर्थ लावपा संबंदींच्या कसल्याय सारस्वरुपाच्या कायद्याच्या प्रस्नाचे निर्देश आसपावीत आसात असो त्या निर्देशांचो अर्थ लायतले.

## प्रकरण V.—भारताचो नियंत्रक आनी महालेखापरिक्षक

**148. भारताचो नियंत्रक आनी महालेखापरिक्षक.**—(1) भारताक एक नियंत्रक आनी महालेखापरिक्षक आसतलो आनी राष्ट्रपती कडल्यान निशाणी आनी स्वमुद्रांकीत अधिपत्रा वरवीं ताची नेमणूक जातली आनी ताका सर्वोच्च न्यायालयाच्या न्यायाधिशा प्रमाणें तशेच रितीन आनी तश्याच कारणा वयल्यान पदा वयल्यान कडेक काडूं येता.

(2) भारताचो नियंत्रक आनी महालेखापरिक्षक म्हूण नेमणूक जाल्ली दर एक व्यक्ती आपणालें पद ग्रहण करचे पयलीं राष्ट्रपती मुखार वा सोपूत आनी दृढकथन हांच्या संबंदांत ताणें नेमिल्ले खंयचेय व्यक्ती मुखार तिसरे अनुसुचींत त्या प्रयोजना खातीर दिल्ल्या नमुन्या प्रमाणें सोपूत घेवन वा दृढकथन करून ताचे खाला स्वाक्षरी करतली.

(3) नियंत्रक आनी महालेखापरिक्षक हांचें वेतन आनी तांच्यो हेर सेवा अटी संसद कायद्या वरवीं थारायतली ते प्रमाणें आसतल्यो आनी त्यो हे प्रमाणें निर्धारीत जायसर, दुसरे अनुसुचींत विनिर्दिश्ट केल्ले प्रमाणें आसतल्यो:

ताका शर्त अशी कीं, नियंत्रक आनी महालेखापरिक्षक हाचें वेतन वा गैरहाजिरी-रजे संबंदांतले, पॅन्शनां विशींचे वा निवृत्तीचे पिराये संबदींचे ताचे अधिकार हांचे भितरल्या किद्यांतूच ताका लुकसाणकारक जायत असो बदल ताचे नेमणुके उपरांत करचे नात.

(4) नियंत्रक आनी महालेखापरिक्षक हांचें पद धारण बंद जाले उपरांत तो भारत सरकाराचे अखत्यारे खालच्या वा खंयच्याय राज्य शासनाचे अखत्यारे खालच्या आनीक खंयच्याच पदाक पात्र आसचो ना.

(5) ह्या संविधानाच्या आनी संसदेन केल्ल्या खंयच्याय कायद्याच्या उपबंधांचें अधीनतायेन, भारतीय लेखापरिक्षा आनी लेखा विभाग हातूंत नोकरी करपी व्यक्तींच्यो सेवा अटी आनी नियंत्रक आनी महालेखापरिक्षक हांचे प्रशासकी अधिकार राष्ट्रपतीन नियंत्रक आनी महालेखापरिक्षक हांचो विचार घेवन उपरांत केल्ल्या नेमां वरवीं विहीत करतले अशे आसतले.

(6) नियंत्रक आनी महालेखापरिक्षक हाच्या कार्यालयांत नोकरी करपी व्यक्तींक वा तांचे संबंदीं दिवपाचीं सगलीं वेतनां, भत्ते आनी पॅन्शनां हांचे सयत त्या कार्यालयाचो प्रशासकी खर्च भारताच्या एकवटीत निधीचेर प्रभारीत करतले.

**149. नियंत्रक आनी महालेखापरिक्षक हांचीं कर्तव्यां आनी अधिकार.**—नियंत्रक आनी महालेखापरिक्षक हो संघराज्य आनी राज्यां तशेच हेर कसलेंय प्राधिकरण वा निकाय (संस्था) हांच्या लेख्यांच्या संबंदांत संसदेन केल्ल्या खंयच्याय कायद्या वरवीं वा ताचे खाला विहीत करतले अश्या कर्तव्यांक पाळो दितलो आनी अशा अधिकारांचो वापर करतलो, आनी, ते संबंदांत हे प्रमाणें उपबंध करीसर तो, ह्या संविधानाच्या आरंभाचे निकटपूर्व डॉमिनियन ऑफ इण्डियाच्या आनी प्रांतांच्या लेख्यांच्या संबंदांत भारताच्या महालेखापरिक्षका कडेन जीं कर्तव्यां दिल्लीं तांचें पालन आनी ताका जे अधिकार वापरूंक येवपा सारके आशिल्ले तांचो वापर अनुक्रमान संघराज्याच्या आनी राज्यांच्या लेख्यांच्या संबंदांत करतलो.

[1][**150. संघराज्याच्या आनी राज्यांच्या लेख्यांचो नमुनो.**—संघराज्याच्या आनी राज्यांच्या लेख्यांचे भारताचो नियंत्रक आनी महालेखापरिक्षक [2][हाच्या सल्ल्या वयल्यान] सुचयत तश्या राष्ट्रपती विहीत करतलो अश्या नमुन्यांनी दवरतले.]

**151. लेखापरिक्षा अहवाल.**—(1) भारताचो नियंत्रक आनी महालेखापरिक्षक हाचे संघराज्याच्या लेख्यां विशींचे अहवाल राष्ट्रपती मुखार दवरतले आनी तो ते संसदेच्या दर एका सभाघरा मुखार दवरूंक लायतलो.

(2) भारताचो नियंत्रक आनी महालेखापरिक्षक हाचे खंयच्याय राज्याच्या लेख्यां विशींचे अहवाल त्या राज्याच्या राज्यपाला मुखार [3]*** दवरतले आनी तो ते राज्याच्या विधीमंडळा मुखार दवरूंक लायतलो.

---

[1] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 27 (1-4-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 150 हे सुवातेर घालें.

[2] संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 22 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "मसलती उपरांत" हे सुवातेर घालें.

[3] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "वा राजप्रमूख" हीं उतरां काडलीं.

# भाग VI

# राज्यां [1]***

## प्रकरण I.—सर्वसादारण

**152. व्याख्या.**—ह्या भागांत, संदर्भाक लागून दुसरे तरेन गरजेचें नासत जाल्यार, "राज्य" ह्या [2][उतरांत जम्मू आनी काश्मीर राज्याचो आसपाव ना.]

## प्रकरण II.—कार्यपालिका

*राज्यपाल*

**153. राज्यांचे राज्यपाल.**—दर एका राज्याक एक राज्यपाल आसतलो

[3][ताका शर्त अशी कीं, दोन वा चड राज्यां खातीर राज्यपाल म्हूण एकेच व्यक्तीची नेमणूक करपाक ह्या अनुच्छेदांतली खंयचीच बाब प्रतिबंधक आसची ना.]

**154. राज्याचो शासनाधिकार.**—(1) राज्याचो शासनाधिकार राज्यपालाचे ठांय निहीत आसतलो आनी ताचे कडल्यान प्रत्यक्षपणान वा ताच्या हाता खालच्या अधिकाऱ्यां वरवीं ह्या संविधाना प्रमाणें ताचो वापर जातलो.

(2) ह्या अनुच्छेदांतले खंयचेच बाबीक लागून—

(क) खंयच्याच विद्यमान कायद्या वरवीं हेर खंयच्याय प्राधिकरणाक प्रदान केल्ले कसलेय कार्याधिकार राज्यपाला कडेन हस्तांतरीत जातात अशें मानचे नात; वा

(ख) राज्यपालाक दुय्यम आशिल्ल्या खंयच्याय प्राधिकरणाक कायद्या वरवीं कार्याधिकार प्रदान करपाक संसदेक वा राज्य विधीमंडळाक प्रतिबंध जावचो ना.

**155. राज्यपालाची नेमणूक.**—राज्याच्या राज्यपालाची नेमणूक राष्ट्रपती कडल्यान स्वाक्षरीत आनी स्वमुद्रांकीत अधिपत्रा वरवीं जातली.

**156. राज्यपालाचो पदावधी.**—(1) राज्यपाल राष्ट्रपतीची खोशी आसत ते मेरेन पद धारण करतलो.

(2) राष्ट्रपतीक लेखून स्वाक्षरीत बरपा वरवीं, राज्यपालाच्यान आपणाल्या अधिकारपदाचो राजिनामो दिवं येता.

(3) ह्या अनुच्छेदाच्या पुर्वगामी उपबंधांचे अधीनतायेन, राज्यपाल जे तारखेक आपणालें अधिकारपद ग्रहण करतलो ते तारखे सावन पांच वर्सांच्या काळा मेरेन तें अधिकारपद धारण करतलो:

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पयले अनुसुचीच्या भाग क" हीं उतरां काडलीं.

[2] कित्तो- कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "म्हणजे पयले अनुसुचीचो भाग क हातूंत विनिर्दिश्ट केल्लें राज्य" हे सुवातेर घालें.

[3] कित्तो- कलम 6 (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं जोडलें.

ताका शर्त अशी कीं, राज्यपाल, ताचो पदावधी सोंपलो तरीय, ताचो उत्तराधिकारी स्वताचें अधिकारपद ग्रहण करीसर पदधारण चालू दवरतलो.

**157. राज्यपालपदा वयले नेमणुके खातीर पात्रताय.**—कोणूय व्यक्ती, ती भारताची नागरीक आसा आनी तिचे पिरायेक पस्तीस वर्सां पूर्ण जाल्यांत अशें आसल्या बगर राज्यपालपदा वयले नेमणुकेक पात्र आसची ना.

**158. राज्यपालपदाच्यो अटी.**—(1) राज्यपाल संसदेच्या खंयच्याच सभाघराचो वा पयले अनुसुचींत विनिर्दिश्ट केल्ल्या खंयच्याच राज्याच्या विधीमंडळाच्या सभाघराचो वांगडी आसचो ना आनी संसदेच्या खंयच्याच सभाघराचो वा अश्या खंयच्याच राज्याच्या विधीमंडळाचो वांगडी राज्यपाल म्हूण नियुक्त जालो जाल्यार, तो राज्यपाल म्हूण आपणालें अधिकारपद ग्रहण करतलो ते तारखेक ताणें त्या सभाघरांतली आपणाली सुवात रिती केली अशें मानतले.

(2) राज्यपाल हेर कसलेंच लाभपद धारण करचो ना.

(3) राज्यपाल आपणाल्या अधिकृत निवासस्थानाचो भाडें दिनासतना वापर करपाक हकदार आसतलो आनी संसद कायद्या वरवीं थारायतली अशे परिलाभ, भत्ते आनी विशेशाधिकार हांकांय हकदार आसतलो आनी त्या संबंदांत हे प्रमाणें उपबंध करीसर, दुसरे अनुसुचींत विनिर्दिश्ट केल्ले अशे परिलाभ, भत्ते आनी विशेशाधिकार हांकांय तो हकदार आसतलो.

[1][(3क) एकेच व्यक्तीची दोन वा चड राज्यांचो राज्यपाल म्हूण नेमणूक केल्ली आसल्यार त्या संबंदांत, राज्यपालाक दिवपाचे परिलाभ आनी भत्ते हांचो खर्च राष्ट्रपती आदेशा वरवीं निर्धारीत करतलो अश्या प्रमाणांत त्या राज्यां मदीं विभागून दितले.]

(4) राज्यपालाचे परिलाभ आनी भत्ते ताच्या पदावधींत उणे करचे नात.

**159. राज्यपालान सोपूत घेवप वा द्दढकथन करप.**—दर एक राज्यपाल वा राज्यपालाचीं कर्तव्यां निभावपी दर एक व्यक्ती, आपणालें अधिकारपद ग्रहण करचे पयलीं त्या राज्याच्या संबंदांत अधिकारितायेचो वापर करपी उच्च न्यायालयाच्या मुख्य न्यायमुर्ती मुखार वा तो गैरहाजीर आसल्यार, त्या न्यायालयाचो सगल्यांत ज्येश्ठ न्यायाधीश उपलब्ध आसल्यार ताचे मुखार फुडल्या नमुन्या प्रमाणें सोपूत घेवन वा द्दढकथन करून ताचे खाला निशाणी करतलो, तें अशें—

“हांव, क.ख., $\frac{\text{देवाचे साक्षीन सोपूत घेतां}}{\text{गंभीरसाणीन द्दढकथन करतां}}$ कीं, हांव …………… (*राज्याचें नांव*) चो राज्यपाल म्हूण म्हजें पदकार्य निश्ठेन निभायतलों/लीं/लें (*वा हांव …….च्या राज्यपालपदाचीं कार्यां निश्ठेन निभायतलों/लीं/लें*) आनी म्हज्या सामर्थ्याची पराकाश्ठा करून संविधान आनी कायदो हांचें जतन, सांबाळ आनी राखण करतलों/लीं/लें आनी हांव स्वताक……………… (*राज्याचें नांव*) चे जनतेचे सेवेक आनी कल्याणा खातीर ओंपून घेतलों/लीं/लें.”

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 7 (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

**160. विशिश्ट आकस्मीक प्रसंगां वेळार राज्यपालाचीं कार्यां निभावप.**—ह्या प्रकरणांत जाचे खातीर उपबंध करूंक ना अशा कसल्याय आकस्मीक वेळा प्रसंगार राज्याच्या राज्यपालाचीं कार्यां निभावपा खातीर राष्ट्रपतीच्यान स्वताक योग्य दिसता तसो उपबंध करूं येता.

**161. विशिश्ट प्रकरणांनी माफी बी करपाचो आनी शिक्षादेश निलंबीत करपाचो, तातूंत सूट दिवपाचो वा तीं सौम्य करपाचो राज्यपालाचो अधिकार.**—राज्याच्या शासनाधिकाराच्या विस्तारांत येवपी अशा कसल्याय विशया कडेन संबंदीत आशिल्ल्या खंयच्याय कायद्या आड केल्ल्या कसल्याय गुन्यांवा खातीर, गुन्यांवकार थारायिल्ले कोणेय व्यक्तीक ख्यास्तीची माफी दिवपाचो, शिक्षा-तहकुबी दिवपाचो, तातूंत थाकाय वा सूट दिवपाचो वा शिक्षादेश निलंबीत करपाचो, तातूंत सूट दिवपाचो वा ती सौम्य करपाचो राज्याच्या राज्यपालाक अधिकार आसतलो.

**162. राज्याच्या शासनाधिकाराचो विस्तार.**—ह्या संविधानाच्या उपबंधांचे अधीनतायेन, राज्याच्या शासनाधिकाराचो विस्तार, जांचे संबंदांत राज्य विधीमंडळाक कायदे करपाचो अधिकार आसा त्या बाबीं मेरेन जातलो:

ताका शर्त अशी कीं, जे बाबी संबंदी राज्य विधीमंडळाक वा संसदेक कायदे करपाचो अधिकार आसा अशे कसलेय बाबी संबंदीं केल्ल्या खंयच्याय कायद्या वरवीं संघराज्याक वा ताच्या प्राधिकरणांक संविधानान स्पश्टपणान प्रदान केल्ल्या शासनाधिकाराक त्या राज्याचो शासनाधिकार अधीन आसतलो आनी ताका लागून मर्यादीत जातलो.

*मंत्रीमंडळ*

**163. राज्यपालाक सहाय्य करपा खातीर आनी सल्लो दिवपा खातीर मंत्रीमंडळ.**—(1) राज्यपालाक आपणाले कार्याधिकार वापरपाच्या कामांत ह्या संविधाना प्रमाणें वा ताचे खाला ताणें आपणाले कार्याधिकार वा तांचे भितरले खंयचेय कार्याधिकार स्वेच्छाधिकारान वापरप जितले मेरेन गरजेचें आसतलें, तितली मर्यादा सोडून, सहाय्य करपा खातीर आनी सल्लो दिवपा खातीर मुख्यमंत्री प्रमूख पदार आशिल्लें एक मंत्रीमंडळ आसतलें.

(2) खंयचीय बाब, जिचे विशीं राज्यपालान ह्या संविधाना प्रमाणें वा ताचे खाला स्वेच्छाधिकारान कृती करप गरजेचें आसा अशा स्वरुपाची आसा काय ना असो कसलोय प्रस्न उप्रासलो जाल्यार, राज्यपालान स्वेच्छाधिकारान दिल्लो निर्णय निमाणो आसतलो, आनी राज्यपालान केल्ले खयंचेच बाबीचें कायदेशीरपण ताणें स्वेच्छाधिकारान कृती करूंक जाय आशिल्ली काय नाका आशिल्ली ह्या कारणा वयल्यान प्रस्नापद करूंक मेळचें ना.

(3) मंत्र्यांनी राज्यपालाक कितेंय सल्लो दिल्लो काय कितें, आनी, हय आसल्यार तो कसलो, ह्या प्रस्नाची खंयच्याच न्यायालयांत चवकशी करूंक मेळची ना.

**164. मंत्र्यां संबंदीं हेर उपबंध.**—(1) मुख्यमंत्र्याची नेमणूक राज्यपाला कडल्यान जातली आनी हेर मंत्र्यांची नेमणूक राज्यपाला कडल्यान मुख्यमंत्र्याच्या सल्ल्या वयल्यान जातली, आनी राज्यपालाची खोशी आसत मेरेन मंत्री अधिकारपदां धारण करतले:

ताका शर्त अशी कीं, [1][छत्तीसगड, झारखण्ड], मध्य प्रदेश आनी [2][ओडिशा] राज्यांनी एक मंत्री आदिवासी कल्याणाचो प्रभारी आसतलो जो ते भायर अनुसुचीत जाती आनी मागास वर्गाच्या कल्याणाचो वा हेर कसल्याय कामाचो प्रभारी आसूं येत.

[3][(1क) राज्यांतल्या मंत्रीमंडळांतल्या मुख्यमंत्र्या सयत मंत्र्यांची वट्ट संख्या त्या राज्यांतल्या विधीमंडळांतल्या वट्ट वांगड्यांचे संख्येच्या पंदरा प्रतिश्यां परस चड आसची न्हय:

ताका शर्त अशी कीं, राज्याच्या मुख्यमंत्र्या सयत मंत्र्यांची संख्या बारां परस उणी आसूंक फावो ना:

ताका आनीक शर्त अशी कीं, जंय संविधान (एक्याणणवावो बदल) अधिनेम, 2003 सुरू जातना खंयच्याय राज्यांतल्या मंत्रीमंडळांतल्या मुख्यमंत्र्या सयत मंत्र्यांची वट्ट संख्या पयल्या परंतुकांत उल्लेख केल्ल्या पंदरा प्रतिश्यां परस चड आसत वा पयल्या उपबंधांत उल्लेखीत केल्ल्या आंकड्या परस चड आसत, जशें आसत तशें, जाल्यार त्या राज्यांतल्या मंत्र्यांची वट्ट संख्या, राष्ट्रपतीन भौशीक अधिसुचोवणे वरवीं थारायिल्ले तारखे[4] सावन स म्हयन्यां भितर ह्या पोटकलमाच्या उपबंधांक अनुरूप करतले.

(1ख) खंयच्याय राजकी पक्षा कडेन संबंदीत आशिल्ल्या, राज्य विधानसभेच्या वा विधान परिशद आशिल्ल्या राज्याचे बाबतींत विधीमंडळाच्या दोनांतल्या खंयच्याय सभाघराच्या वांगड्याक धावे अनुसुचीच्या परिच्छेद 2 खाला तो त्या सभाघराचो वांगडी जावंक अपात्र थारिल्ल्यान, तो अपात्र जाला ते तारखे सावन ताचो वांगडीपणाचो कार्यकाळ सोंपपाचे तारखे मेरेन, वा तो काळ सोंपचे आदीं ताणें विधानसभेच्या वा विधान परिशद आशिल्ल्या विधीमंडळाच्या दोनांतल्या खंयच्याय सभाघराच्या वांगडीपणा खातीर वेंचणूक लडयल्यार वा तो वेंचून आयिल्ल्याचें जाहीर जाल्ल्याचे तारखे मेरेन, हातूंतलें जें आदीं येता ते मेरेन, पोटकलम (1) खाला तो मंत्री म्हूण नियुक्त जावपाकूय अपात्र थारतलो.]

(2) मंत्रीमंडळ राज्य विधानसभेक सामुदायीकपणान जापसालदार आसतलें.

(3) मंत्र्यान आपणालें अधिकारपद ग्रहण करचे पयलीं राज्यपाल ताका अधिकारपद आनी गुप्तताय हांचे सोपूत त्या प्रयोजना खातीर तिसरे अनुसुचींत दिल्ल्या नमुन्या प्रमाणें दितलो.

---

[1] संविधान (चवद्याणवावो बदल) अधिनेम, 2006, कलम 2 (12-6-2006 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "बिहार" हे सुवातेर घालें.

[2] ओरिसा (नांवांत फेरबदल) अधिनेम, 2011 (2011चो 15वो), कलम 4 (1-11-2011 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "ओरिसा" हे सुवातेर घालें.

[3] संविधान (एक्याणणवावो बदल) अधिनेम, 2003, कलम 3 (1-1-2004 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[4] 7-1-2004, अधिसुचोवणी क्रमांक S.O.21(E), तारीख 7-1-2004 पळोवची.

(4) जो मंत्री खंयच्याय कालावधींत सेगीत स म्हयने राज्य विधीमंडळाचो वांगडी नासतलो, ताचें मंत्रीपद तो स म्हयन्यांचो कालावधी सोंपतकूच सोंपतलें.

(5) मंत्र्यांचीं वेतनां आनी भत्ते राज्य विधीमंडळ कायद्या वरवीं वेळावेळार निर्धारीत करतले ते प्रमाणें आसतले आनी, राज्य विधीमंडळ हे प्रमाणें ते निर्धारीत करीसर, दुसरे अनुसुचींत विनिर्दिश्ट केल्ले प्रमाणें आसतलें.

*राज्याचो महाअधिवक्तो*

**165. राज्याचो महाअधिवक्तो.**—(1) दर एका राज्याचो राज्यपाल, उच्च न्यायालयाचो न्यायाधीश म्हूण नेमणूक जावपाक जी व्यक्ती पात्र आसा अशे कोणेय व्यक्तीक राज्याचो महाअधिवक्तो म्हूण नियुक्त करतलो.

(2) राज्यपाला कडल्यान महाअधिवक्त्या कडेन त्या-त्या वेळार निर्देशीत जातल्यो अश्या कायद्या विशींच्या बाबींचेर सरकाराक सल्लो दिवप आनी राज्यपाल ताका वेळावेळार निर्देशीत करीत वा नेमून दीत असलीं कायद्याच्या स्वरुपाचीं हेर कर्तव्यां करप, आनी ह्या संविधाना वरवीं वा ताचे खाला वा तित्पुरतो अंमलांत आशिल्ल्या हेर कसल्याय कायद्यां वरवीं ताका प्रदत्त कार्यां करप.

(3) महाअधिवक्तो राज्यपालाची खोशी आसत ते मेरेन अधिकारपद धारण करतलो, आनी ताका राज्यपाल निर्धारीत करीत तो मोबदलो मेळटलो.

*सरकारी कामकाज चलोवप*

**166. राज्य सरकाराचें कामकाज चलोवप.**—(1) राज्य सरकाराचें संपूर्ण सरकारी कार्य राज्यपालाच्या नांवान करचें अशें स्पश्ट करतले.

(2) राज्यपालाच्या नांवान केल्ले आदेश आनी निशपादीत केल्ले हेर संलेख राज्यपालान करपाच्या नेमांनी विनिर्दिश्ट करतले अशे रितीन अधिप्रमाणीत करतले, आनी हे प्रमाणें अधिप्रमाणीत केल्लो आदेश वा संलेख राज्यपालान केल्लो वा निशपादीत केल्लो ना ह्या कारणा वयल्यान ताचें कायदेशीरपण प्रस्नास्पद करूंक मेळचें ना.

(3) राज्य सरकाराचें कामकाज चड सोयीस्करपणान चलचें हाचे खातीर, आनी वयर सांगलां तें कामकाज हें जाचे विशीं ह्या संविधाना प्रमाणें वा ताचे खाला राज्यपालान स्वेच्छाधिकारान कृती करप गरजेचें आसा असलें कामकाज नासत तेन्ना मेरेन, तें मंत्र्यां मदीं वांटून दिवपा खातीर राज्यपाल नेम करतलो.

[1](4) * * * * *

**167. राज्यपालाक माहिती दिवप, आदी अश्या बाबीं विशीं मुख्यमंत्र्याचीं कर्तव्यां.**—

(क) राज्याच्या कारभाराच्या प्रशासना संबंदींच्या मंत्रीमंडळाच्या सगल्या निर्णयां खातीर आनी विधीविधानां खातीर आशिल्ले सगले प्रस्ताव राज्यपालाक कळोवप;

(ख) राज्याच्या कारभाराच्या प्रशासना संबंदींच्या आनी विधीविधानां खातीर आशिल्ल्या प्रस्तावां संबंदीं राज्यपाल मागयत ती माहिती दिवप, आनी

(ग) जे बाबीचेर कोणाय मंत्र्यान निर्णय घेतला, पूण मंत्रीमंडळान जिचेर विचार करूंक ना अशी कसलीय बाब, राज्यपालाक जाय जाल्यार, मंत्रीमंडळाच्या विचारा खातीर मांडप,

हें दर एका राज्याच्या मुख्यमंत्र्याचें कर्तव्य आसतलें.

## प्रकरण III.—राज्य विधीमंडळ

*सर्वसादारण*

**168. राज्यांच्या विधीमंडळांची घडण.**—(1) दर एका राज्या खातीर एक विधीमंडळ आसतलें जें राज्यपाल, तशेंच—

(क) [2]*** [3][आंध्र प्रदेश], बिहार, [4]*** [5][मध्य प्रदेश], [6]*** [7][महाराष्ट्र], [8][कर्नाटक], [9]***

---

[1] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 28 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें आनी संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 23 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें.

[2] आंध्र प्रदेश विधान परिशद (रद्दीकरण) अधिनेम, 1985 (1985चो 34वो), कलम 4 (1-6-1985 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "आंध्र प्रदेश" हीं उतरां काडलीं.

[3] आंध्र प्रदेश विधान परिशद अधिनेम, 2005 (2006चो 1लो), कलम 3 (30-3-2007 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[4] मुंबय फेररचणूक अधिनेम, 1960 (1960चो 11वो), कलम 20 (1-5-1960 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "मुंबय" हें उतर काडलें.

[5] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 8 (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[6] तमीळ नाडू विधान परिशद (रद्दीकरण) अधिनेम, 1986 (1986चो 40वो), कलम 4 (1-11-1986 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "तमीळ नाडू" हीं उतरां काडलीं.

[7] मुंबय फेररचणूक अधिनेम, 1960 (1960चो 11वो), कलम 20 (1-5-1960 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[8] मैसूर राज्य (नांवांत फेरबदल) अधिनेम, 1973 (1973चो 31वो), कलम 4 (1-11-1973 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "मैसूर" हे सुवातेर घालें आनी संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 8(1) (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं ते निविश्ट केलें.

[9] पंजाब विधान परिशद (रद्दीकरण) अधिनेम, 1969 (1969चो 46वो), कलम 4 (7-1-1970 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पंजाब" उतर काडलें.

[1][[2][तमीळ नाडू, तेलंगण]] [3][आनी उत्तर प्रदेश], ह्या राज्यांतलीं दोन सभाघरां;

(ख) हेर राज्यांनी, एक सभाघर, मेळून घडिल्लें आसतलें.

(2) जंय राज्याच्या विधीमंडळाक दोन सभाघरां आसतलीं थंय, एका विधान परिशद आनी दुसऱ्याक विधानसभा अशें म्हणटले, आनी जंय फकत एक सभाघर आसत थंय, ताका विधानसभा अशें म्हणटले.

**169. राज्यांतल्यो विधान परिशदो काडून उडोवप वा निर्माण करप.**—(1) अनुच्छेद 168त कितेंय आसलें तरी, विधान परिशद आशिल्ल्या राज्यांत अशी विधान परिशद काडून उडोवपाक वा अशी विधान परिशद नाशिल्ल्या राज्यांत अशी विधान परिशद निर्माण करपा खातीर त्या राज्याचे विधानसभेन सभाघराचे एकंदर वांगडी संख्येच्या भोवमतान आनी सभाघरांत हाजीर आशिल्ल्या आनी मतदान करपी वांगड्यांच्या दोन-तृतियांशा परस उणें न्हय इतल्या भोवमतान तशा अर्थाचें विधेयक पास केल्यार, संसदेच्यान कायद्या वरवीं उपबंध करूं येता.

(2) पोटकलम (1)त निर्देशिल्ल्या खंयच्याय कायद्यांत त्या कायद्याच्या उपबंधांची अंमलबजावणी करपा खातीर गरजेचे आसतले अशे ह्या संविधानाच्या बदलाचे उपबंध आसपावीत आसतले आनी संसदेक गरजेचे दिसतीत अशेय पुरक, अनुशंगीक आनी परिणामी उपबंध आसूं येतात.

(3) अनुच्छेद 368च्या प्रयोजनां खातीर पयलीं सांगिल्ल्यांतलो खंयचोच कायदो हो ह्या संविधानाचो बदल आसा अशें मानचे नात.

[4][**170. विधानसभांची घडण.**—(1) अनुच्छेद 333च्या उपबंधांचे अधीनतायेन, दर एका राज्याची विधानसभा राज्यांतल्या क्षेत्रीय मतदारसंघांतल्यान प्रत्यक्ष वेंचणुके वरवीं वेंचिल्ले चडांत चड पांचशें आनी उण्यांत उणे साठ इतले वांगडी मेळून जाल्ली आसतली.

(2) पोटकलम (1)च्या प्रयोजनां खातीर, दर एक राज्य अशे रितीन क्षेत्रीय मतदारसंघांनी विभागतले कीं, दर एका मतदारसंघाची लोकसंख्या आनी ताका वांटून दिल्ल्या सुवातांची संख्या हांचें गुणोत्तर, वेव्हार्य आसत तितले मेरेन, राज्यांत सगले कडेन सारकेंच आसतलें.

---

[1] तमीळ नाडू विधान परिशद अधिनेम, 2010 (2010चो 16वो), कलम 3 (तारीख अधिसुचीत जावंक ना) वरवीं "तमीळ नाडू" हीं उतरां निविश्ट केलीं.

[2] आंध्र प्रदेश फेररचणूक अधिनेम, 2014 (2014चो 6वो), कलम 96 (1-6-2014 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "तमीळ नाडू" हे सुवातेर घालें.

[3] पश्चीम बंगाल विधान परिशद (रद्दीकरण) अधिनेम, 1969 (1969चो 20वो), कलम 4 (1-8-1969 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "उत्तर प्रदेश आनी पश्चीम बंगाल" हे सुवातेर घालें.

[4] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 9 (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 170 हे सुवातेर घालें.

[1][ *फोडणिशी.*—ह्या पोटकलमांत "लोकसंख्या" ह्या उतराचो अर्थ, जे जनगणनेची संबंदीत आंकडेवारी उजवाडा आयल्या अशे निकटपूर्व जनगणनेंत अदमाशिल्ली लोकसंख्या असो आसा:

ताका शर्त अशी कीं, हे *फोडणिशेंतल्यान* जे जनगणनेची संबंदीत आंकडेवारी उजवाडा आयिल्ली आसा अशी निकटपूर्व जनगणना ह्या उल्लेखाचो अर्थ, वर्स [2][2026] उपरांत जावपाचे आशिल्ले पयले जनगणनेची संबंदीत आंकडेवारी प्रकाशीत जायत मेरेन [3][2001] वर्साचे जनगणनेचो उल्लेख म्हूण लायतले.]

(3) दर एक जनगणना पूर्ण जातकूच दर एका राज्याचे विधानसभेंतल्या सुवातांची वट्ट संख्या आनी दर एका राज्याची क्षेत्रीय मतदारसंघांनी केल्ली विभागणी हांचें संसद, कायद्या वरवीं निर्धारीत करतली अश्या प्राधिकरणा कडल्यान आनी अशे रितीन फेरसमायोजन करतली:

ताका शर्त अशी कीं, अशा फेरसमायोजनाक लागून त्या वेळार अस्तित्वांत आशिल्ली विधानसभा बरखास्त जायत मेरेन त्या सभाघरांतल्या प्रतिनिधित्वाचेर परिणाम जावचो ना:

[4][ताका आनीक शर्त अशी कीं, अशें फेरसमायोजन राष्ट्रपती आदेशा वरवीं विनिर्दिश्ट करतलो अशे तारखे सावन परिणामक जातलें आनी अशें फेरसमायोजन परिणामक जायसर विधानसभेची खंयचीय वेंचणूक अशा फेरसमायोजना पयलीं अस्तित्वांत आशिल्ल्या क्षेत्रीय मतदारसंघाच्या आदारान घेवं येता:

ताका आनिकूय शर्त अशी कीं, वर्स [2][2026] उपरांत जावपी पयले जनगणनेची संबंदीत आंकडेवारी प्रकाशीत जायत मेरेन,—

[5][(i) 1971चे जनगणनेच्या आदारान फेरसमायोजीत केल्ल्या प्रमाणें दर एका राज्याचे विधानसभेंतल्या सुवातांची वट्ट संख्या; आनी

(ii) [3][2001]चे जनगणनेच्या आदारान फेरसमायोजीत करतलीं अश्या दर एका राज्याच्या क्षेत्रीय मतदारसंघांनी जाल्ली विभागणी,

ह्या पोटकलमा खाला फेरसमायोजीत करपाची गरज आसची ना.]

---

[1] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 29 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं *फोडणिशी* हे सुवातेर घालें.

[2] संविधान (चवद्यांयश्यांवो बदल) अधिनेम, 2001, कलम 5 (21-2-2002 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "2000" हे सुवातेर घालें.

[3] संविधान (सत्त्यांयश्यांवो बदल) अधिनेम, 2003, कलम 4 (22-6-2003 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "1991" हे सुवातेर घालें. संविधान (चवद्यांयश्यांवो बदल) अधिनेम, 2001, कलम 5 (21-2-2002 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "1991" ह्या मूळ आंकड्याचे सुवातेर "1971" घालें.

[4] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 29 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[5] संविधान (चवद्यांयश्यांवो बदल) अधिनेम, 2001, कलम 5 (21-2-2002 हे तारखे सावन लागू) वरवीं विशिश्ट उतरांचे सुवातेर घालें.

**171. विधान परिशदांची घडण.**—(1) विधान परिशद आशिल्ल्या राज्यांतले अशे विधान परिशदेंतल्या वांगड्यांची वट्ट संख्या त्या राज्यांतले विधानसभेचे वट्ट संख्येच्या [1][एक-तृतियांशा परस] चड आसची ना:

ताका शर्त अशी कीं, राज्याचे विधान परिशदेच्या वांगड्यांची वट्ट संख्या कितेंय जालें तरी चाळिसां परस उणी आसची ना.

(2) संसद कायद्या वरवीं दुसरे तरेन उपबंध करीसर, राज्याचे विधान परिशदेची घडण पोटकलम (3)त उपबंधांत केल्ले प्रमाणें उरतली.

(3) राज्याचे विधान परिशदेच्या वांगड्यांचे वट्ट संख्येंतले—

(क) जाता तितले लागीं मेरेन लागीं एक-तृतियांश वांगडी हे, त्या राज्यांतल्यो नगरपालिका, जिल्लो मंडळां आनी संसद कायद्या वरवीं निर्दिश्ट करतली अशीं हेर थळावीं प्राधिकरणां हांचे वांगडी मेळून घडिल्ल्या मतदार कडल्यान वेंचून येतले;

(ख) जायत तितले लागीं मेरेन एक-बारांश वांगडी हे, भारताच्या राज्यक्षेत्रांतल्या खंयच्याय विद्यापिठाचे जे उणींच ते तीन वर्सां तरी वांगडी आसात वा संसदेन केल्ल्या खंयच्याय कायद्या वरवीं वा ताचे खाला अश्या खंयच्याय विद्यापिठाच्या पदवीधरांच्या पात्रतायां कडेन समतुल्य म्हूण विहीत जाल्ल्यो पात्रतायो उणीं तीं तीन वर्सां तरी जांचे ठांय आसात, अश्या, त्या राज्यांत रावपी व्यक्तींनी घडिल्ल्या मतदार कडल्यान वेंचून दितले;

(ग) जायत तितले लागीं मेरेन, एक-बारांश वांगडी हे, संसदेन केल्ल्या खंयच्याय कायद्या वरवीं वा ताचे खाला विहीत करतली अश्या आनी माध्यमीक शाळेच्या दर्ज्या परस सकयलो दर्जो नाशिल्ल्या अश्या, त्या राज्यांतल्या शिक्षण संस्थांनी अध्यापनाच्या कामांत उणींच तीं तीन वर्सां आशिल्ल्या अश्या व्यक्तींनी घडिल्ल्या मतदार कडल्यान वेंचून येतले;

(घ) जायत तितले लागीं मेरेन, एक-तृतियांश वांगडी हे, राज्याचे विधानसभेच्या वांगड्यां कडल्यान ते सभेचे वांगडी नाशिल्ल्या व्यक्तीं मदल्यान वेंचून दितले;

(ङ) उरिल्ले वांगडी पोटकलम (5)च्या उपबंधा प्रमाणें राज्यपाला कडल्यान नामनिर्देशीत जातले.

(4) पोटकलम (3)चें उप-पोटकलम (क), (ख) आनी (ग) हांचे खाला वेंचून दिवपाचे वांगडी संसदेन केल्ल्या खंयच्याय कायद्या वरवीं वा ताचे खाला विहीत करतले अशा क्षेत्रीय मतदारसंघां मदीं

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 10 (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "एक-चतुर्थांश" ह्या उतरांचे सुवातेर घालें.

वेंचतले आनी वयलें उप-पोटकलम वा वयल्या पोटकलमाचें उप-पोटकलम (घ) हाचे खालच्यो वेंचणुको प्रमाणशीर प्रतिनिधित्व पद्दती प्रमाणें एकल - संक्रामणीय मता वरवीं घेतले.

(5) पोटकलम (3)चें उप-पोटकलम (ङ) हाचे खाला राज्यपालान नामनिर्देशीत करपाचे वांगडी म्हणल्यार फुडें दिल्ल्या विशयां संबंदांत खाशेलें गिन्यान वा वेव्हारीक अणभव आशिल्ल्यो व्यक्ती आसतल्यो, ते विशय अशे:—

वाङमय, शास्त्र, कला, सहकारी चळवळ आनी समाजसेवा.

**172. राज्य विधीमंडळांचो कालावधी.**—(1) दर एका राज्याची दर एक विधानसभा तिचे पयले सभे खातीर थारायिल्ले तारखे सावन [1][पांच वर्सां मेरेन] ते पयलीं ती बरखास्त जाली ना जाल्यार चालू उरतली, ते परस चड काळ ना आनी [1][पांच वर्सांचो] वयर सांगला तो काळ सोंपतकूच परिणाम म्हूण त्या सभाघराची बरखास्ती घडून येतली:

ताका शर्त अशी कीं, आणिबाणीची उद्घोशणा लागू आसता तेन्ना संसदेच्यान वयर सांगला तो काळ चडांत चड एका वर्सा मेरेन वाडोवं येता, मात खंयचेच परिस्थितींत, उद्घोशणा लागू आसपाचें बंद जायत सावन, स म्हयन्यां फुडें वच्चें ना.

(2) राज्याची विधान परिशद बरखास्ती पात्र आसची ना पूण संसदेन कायद्या वरवीं निवृत्ते संबंदांत केल्ल्या उपबंधां प्रमाणें तिच्या वांगड्यां मदले जायत लागीं मेरेन एक-तृतियांश इतले वांगडी दर दुसऱ्या वर्साचे अखेरेक जायत तितले बेगीन निवृत्त जातले.

**173. राज्य विधीमंडळाच्या वांगडीपणा खातीर पात्रताय.**—कोणूय व्यक्ती—

[2][(क) ती भारताचो नागरीक आसा आनी वेंचणूक आयोगान सोपूत वा द्दढकथन हांचे संबंदांत प्राधिकृत केल्ले कोणेय व्यक्ती मुखार, त्या प्रयोजना खातीर तिसरे अनुसुचींत दिल्ल्या नमुन्या प्रमाणें तिणें सोपूत घेवन वा द्दढकथन करून ताचे खाला निशाणी केल्या;]

---

[1] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 30 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पांच वर्सां" हे सुवातेर घालें आनी संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 24 (6-9-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "स वर्सां" हे सुवातेर घालें.

[2] संविधान (सोळावो बदल) अधिनेम, 1963, कलम 4 (5-10-1963 हे तारखे सावन लागू) वरवीं पोटकलम (क) हे सुवातेर घालें.

(ख) विधानसभेंतले सुवातेच्या संबंदांत, ती उणीच ती पंचवीस वर्सां पिरायेची आनी विधान परिशदेंतले सुवातेच्या संदर्भांत, ती उणीच ती तीस वर्सां पिरायेची आसा; आनी

(ग) संसदेन केल्ल्या खंयच्याय कायद्या वरवीं वा ताचे खाला ते संबंदांत विहीत करतले अश्यो हेर पात्रतायो तिचे ठांय आसात,

अशें आसले बगर राज्याच्या विधीमंडळाच्यो सुवातो भरपा खातीर जावपी वेंचणुकेक पात्र जावची ना.

[1][**174. राज्य विधीमंडळाचीं सत्रां, सत्रसमाप्ती आनी बरखास्ती.**—(1) राज्यपाल स्वताक योग्य दिसत अशा वेळार आनी अशे सुवातेर बसका घेवपा खातीर राज्य विधीमंडळाच्या सभाघराक वा दोनांतल्या दर एका सभाघराक वेळावेळार अभिनिमंत्रीत करतलो, पूण ताची एका सत्रांतली निमाणी बसका आनी फुडल्या सत्रांतले ताचे पयले बसके खातीर थारायिल्ली तारीख हांचे मजगतीं स म्हयन्यां वयर अंतर आसूं नजो.

(2) राज्यपालाच्यान वेळावेळार—

(क) सभाघराची वा दोनांय मदल्या खंयच्याय सभाघराची सत्रसमाप्ती करूं येता;

(ख) विधानसभा बरखास्त करूं येता.]

**175. राज्यपालाचो सभाघराक वा सभाघरांक लेखून आभिभाशण करपाचो आनी संदेश धाडपाचो अधिकार.**—(1) राज्यपालाच्यान विधानसभेक वा, विधान परिशद आशिल्ल्या राज्याच्या संबंदांत, त्या राज्याच्या विधीमंडळाच्या खंयच्याय सभाघराक, वा एकठांय जमिल्ल्या दोनूय सभाघरांक लेखून अभिभाशण करूं येता, आनी त्या प्रयोजना खातीर वांगड्यांक हाजीर रावप गरजेचें आसूं येता.

(2) राज्यपालाच्यान राज्य विधीमंडळाच्या सभाघराक वा सभाघरांक संदेश धाडूं येता मागीर तो विधीमंडळांत त्या वेळार प्रलंबीत आशिल्ल्या खंयच्याय विधेयका संबंदांत आसूं वा हेर कसलोय आसूं, आनी जाका हे प्रमाणें कसलोय संदेश धाडिल्लो आसा तें सभाघर त्या संदेशा प्रमाणें जी बाब विचारांत घेवप गरजेचें आसत अशी कसलीय बाब जाता तितले बेगीन आपले सोयीन विचारांत घेतलें.

**176. राज्यपालाचें खाशेलें अभिभाशण.**—(1) [2][विधानसभेचे दर एके सार्वत्रीक वेंचणुके उपरांत पयल्या सत्राच्या आरंभाक आनी दर एका वर्साच्या पयल्या सत्राच्या] आरंभाक विधानसभेक वा, विधान परिशद आशिल्ल्या राज्यांच्या संबंदांत, एकठांय जमिल्ल्या दोनूय सभाघरांक लेखून राज्यपाल अभिभाशण करतलो आनी विधीमंडळाक ताका कित्या खातीर अभिनिमंत्रीत केलां त्या कारणांची माहिती दितलो.

(2) अश्या अभिभाशणांत निर्देशिल्ल्या बाबींचे चर्चे खातीर वेळ वांटून दिवपा खातीर [3]*** सभाघराचे वा दोनां मदल्या खंयच्याय सभाघराचे कार्यपद्दतीचें विनेमन करपी नेमां वरवीं उपबंध करतले.

---

[1] संविधान (पयलो बदल) अधिनेम, 1951, कलम 8 (18-6-1951 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 174 हे सुवातेर घालें.

[2] कित्तो- कलम 9 (18-6-1951 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "दर एक सत्र" ह्या उतरांचे सुवातेर घालें.

[3] कित्तो- कलम 9 (18-6-1951 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "सभाघराच्या हेर कामकाजाचे आदीं हे चर्चेक अग्रक्रम दिवपा खातीर" हीं उतरां काडलीं.

**177. मंत्री आनी महाअधिवक्तो हांचे सभाघरा संबदीं अधिकार.**—दर एका मंत्र्याक आनी राज्याच्या महाअधिवक्त्याक राज्याचे विधानसभेंत वा, विधान परिशद आशिल्ल्या राज्यांच्या संबंदांत, दोनूय सभाघरांनी भाशण करपाचो आनी हेर तरेन तांच्या कामांत भाग घेवपाचो आनी विधीमंडळाचे जे समितींत ताचें नांव वांगडी म्हूण घाल्लें आसत अशे खंयचेय समितींत भाशण करपाचो आनी हेर तरेन तिच्या कामांत भाग घेवपाचो अधिकार आसतलो, पूण ह्या अनुच्छेदाच्या आदारान ताका मतदान करपाचो हक्क आसचो ना.

*राज्य विधीमंडळाचे अधिकारी*

**178. विधानसभेचो अध्यक्ष आनी उपाध्यक्ष.**—दर एका राज्याची विधानसभा, जाता तितले बेगीन, विधानसभेच्या दोन वांगड्यांक अनुक्रमान आपणालो अध्यक्ष आनी उपाध्यक्ष म्हूण वेंचतली आनी अध्यक्षाचें वा उपाध्यक्षाचें पद रितें आसतलें, तेन्ना-तेन्ना विधानसभा हेर एका वांगड्याक अध्यक्ष वा उपाध्यक्ष जशें आसत तशें म्हूण वेंचतली.

**179. अध्यक्षपद आनी उपाध्यक्षपद रितें जावप आनी ताचो राजिनामो दिवप आनी ताचे वयल्यान कडेक काडप.**—विधानसभेचो अध्यक्ष वा उपाध्यक्ष म्हूण पद धारण करपी वांगड्याक—

(क) ताचें विधानसभेचें वांगडीपण सोंपिल्लें आसल्यार आपणालें पद रितें करचें पडटलें;

(ख) असो वांगडी हो अध्यक्ष आसल्यार, उपाध्यक्षाक आनी असो वांगडी हो उपाध्यक्ष आसल्यार, अध्यक्षाक लेखून बरयिल्ल्या स्वाक्षरीत बरपा वरवीं खंयच्याय वेळार आपणाल्या पदाचो राजिनामो दिवंक मेळत; आनी

(ग) विधानसभेच्या त्या वेळा वयल्या सगल्या वांगड्यांच्या भोवमतान पास जाल्ल्या विधानसभेच्या थारावा वरवीं ताच्या पदा वयल्यान कडेक काडूं येता:

ताका शर्त अशी कीं, पोटकलम (ग)च्या प्रयोजना खातीर खंयचोय थाराव मांडपाचो हेत आसा अशें उणेच त्या चवदा दिसांची कळोवणी दिल्या बगर तो थाराव मांडचे नात:

ताका आनीक शर्त अशी कीं, विधानसभा बरखास्त जातली तेन्ना तेन्ना, बरखास्ते उपरांत जावपी विधानसभेचे पयले सभेचे निकटपूर्व मेरेन अध्यक्ष आपणालें पद रितें करचो ना.

**180. उपाध्यक्ष वा हेर व्यक्ती हांचो अध्यक्षपदाचीं कर्तव्यां करपाचो वा अध्यक्ष म्हूण कार्य चलोवपाचो अधिकार.**—(1) अध्यक्षपदाचें पद रितें आसत तेन्ना त्या पदाचीं कर्तव्यां उपाध्यक्षाक वा, उपाध्यक्षाचें पदूय रितें आसत जाल्यार, राज्यपाल त्या प्रयोजना खातीर जाका नेमतलो अशा विधानसभेच्या वांगड्यान करची पडटलीं.

(2) विधानसभेचे खंयचेय बसकेंत अध्यक्ष गैरहाजीर आसत तेन्ना उपाध्यक्ष वा, तोय गैरहाजीर आसल्यार, विधानसभेच्या कार्यपद्धत नेमां वरवीं थारायतले अशी व्यक्ती, वा, अशी कोणूय व्यक्ती हाजीर नासल्यार विधानसभा थारायत अशी हेर कोणूय व्यक्ती अध्यक्ष म्हूण कार्य करतली.

**181. अध्यक्षाक वा उपाध्यक्षाक ताच्या पदा वयल्यान कडेक काडपाचो थाराव विचाराधीन आसत तेन्ना ताणें अध्यक्षस्थान स्विकारिनासप.**—(1) विधानसभेचे खंयचेय बसकेंत, अध्यक्षाक ताच्या पदा वयल्यान कडेक काडपाचो कसलोय थाराव विचाराधीन आसत तेन्ना अध्यक्ष, वा उपाध्यक्षाक ताच्या पदा वयल्यान कडेक काडपाचो कसलोय थाराव विचाराधीन आसत तेन्ना उपाध्यक्ष, स्वता हाजीर आसलो तरीय, अध्यक्षस्थान स्विकारचो ना, आनी अनुच्छेद 180च्या पोटकलम (2)चे उपबंध अध्यक्ष वा उपाध्यक्ष, जशें आसत तशें, गैरहाजीर आशिल्ले बसकेच्या संबंदांत जशे लागू जातात, तशें ते पयलीं सांगिल्ले अशे दर एके बसकेच्या संबंदांत लागू जातले.

(2) अध्यक्षाक ताच्या पदा वयल्यान कडेक काडपाचो कसलोय थाराव विधानसभेंत विचाराधीन आसत तेन्ना ताका विधानसभेंत भाशण करपाचो आनी तिच्या कामकाजांत हेर तरेन भाग घेवपाचो अधिकार आसतलो, आनी अनुच्छेद 189त कितेंय आसलें तरी अशें कामकाज चालू आसत तेन्ना अशा थारावाचेर वा हेर खंयचेय बाबीचेर फकत पयलेच खेपे मतदान करपाचो ताका हक्क आसतलो, पूण मतां समसमान जाल्यार मात आसचो ना.

**182. विधान परिशदेचो सभापती आनी उप-सभापती.**—विधान परिशद आशिल्ल्या दर एका राज्याची अशी विधान परिशद, जायत तितले बेगीन विधान परिशदेच्या दोन वांगड्यांक आपणालो अनुक्रमान सभापती आनी उप-सभापती म्हूण वेंचतली आनी सभापतीचें वा उप-सभापतीचें पद रितें जायत, तेन्ना तेन्ना विधान परिशद हेर कोणाय वांगड्याक सभापती वा उप-सभापती, जशें आसत तशें, म्हूण वेंचतली.

**183. सभापतीपद आनी उप-सभापतीपद रितें जावप आनी ताचो राजिनामो दिवप आनी त्या पदा वयल्यान काडप.**—विधान परिशदेचो सभापती वा उप-सभापती म्हूण पद धारण करपी वांगड्याक—

(क) ताचें विधान परिशदेचें वांगडीपण सोंपिल्लें आसल्यार आपणालें पद रितें करचें पडटलें;

(ख) असो वांगडी हो सभापती आसल्यार, उप-सभापतीक आनी असो वांगडी उप-सभापती आसल्यार, सभापतीक लेखून बरयिल्ल्या स्वाक्षरीत बरपा वरवीं खंयच्याय वेळार आपणाल्या पदाचो राजिनामो दिवंक मेळटलो; आनी

(ग) विधान परिशदेच्या त्या वेळा वयल्या सगल्या वांगड्यांच्या भोवमतान पास जाल्ल्या विधान परिशदेच्या थारावा वरवीं ताच्या पदा वयल्यान कडेक काडूं येता:

ताका शर्त अशी कीं, पोटकलम (ग)च्या प्रयोजना खातीर कसलोय थाराव मांडपाचो हेत आसा अश्या उणेच त्या चवदा दिसांची कळोवणी दिल्या बगर तो थाराव मांडूंक मेळचो ना.

**184. उप-सभापती वा हेर कोणूय व्यक्ती हांचो सभापतीपदाचीं कर्तव्यां करपाचो वा सभापती म्हूण कार्य चलोवपाचो अधिकार.**—(1) सभापतीचें पद रितें आसता तेन्ना त्या पदाचीं कर्तव्यां उप-सभापतीक वा उप-सभापतीचें पदूय रितें आसत जाल्यार, राज्यपाल त्या प्रयोजना खातीर जाका नेमतलो अशा विधान परिशदेच्या वांगड्यान करचीं पडटलीं.

(2) विधान परिशदेचे खंयचेय बसकेंत सभापती गैरहाजीर आसत, तेन्ना उप-सभापती, वा तोय गैरहाजीर आसत जाल्यार, विधान परिशदेच्या कार्यपद्दत नेमां वरवीं थारायतले अशी व्यक्ती, वा अशी कोणूय व्यक्ती हाजीर नासत जाल्यार, विधान परिशद थारायत अशी हेर कोणूय व्यक्ती सभापती म्हूण कार्य करतली.

**185. सभापतीक वा उप-सभापतीक पदा वयल्यान कडेक काडपाचो थाराव विचाराधीन आसत तेन्ना ताणें अध्यक्षस्थान स्विकारिनासप.**—(1) विधान परिशदेचे खंयचेय बसकेंत, सभापतीक ताच्या पदा वयल्यान कडेक काडपाचो कसलोय थाराव विचाराधीन आसत तेन्ना सभापती, वा उप-सभापतीक ताच्या पदा वयल्यान कडेक काडपाचो कसलोय थाराव विचाराधीन आसता तेन्ना उप-सभापती, स्वता हाजीर आसलो तरीय, अध्यक्षस्थान स्विकारचो ना, आनी अनुच्छेद 184च्या पोटकलम (2)चें उपबंध सभापती वा उप-सभापती जशें आसत तशें, गैरहाजीर आशिल्ले बसकेच्या संबंदांत जशे लागू जातात, तशे ते अशे दर एके बसकेच्या संबंदांत लागू जातले.

(2) सभापतीक ताच्या पदा वयल्यान कडेक काडपाचो कसलोय थाराव विधान परिशदेंत विचाराधीन आसत तेन्ना, ताका विधान परिशदेंत भाशण करपाचो आनी तिच्या कामांत हेर तरेन भाग घेवपाचो अधिकार आसतलो आनी अनुच्छेद 189त कितेंय आसलें तरी, अशें कामकाज चालू आसत तेन्ना अशा थारावाचेर वा हेर कसलेय बाबीचेर फकत पयलेच खेपे मतदान करपाचो ताका हक्क आसतलो, पूण मतां समसमान जाल्यार मात आसचो ना.

**186. अध्यक्ष आनी उपाध्यक्ष तशेंच सभापती आनी उप-सभापती हांचीं वेतनां आनी भत्ते.**—विधानसभेचो अध्यक्ष आनी उपाध्यक्ष हांकां तशेंच विधान परिशदेचो सभापती आनी उप-सभापती हांकां दर एकीं राज्य विधीमंडळ कायद्या वरवीं थारायत अशीं वेतनां आनी भत्ते दितले आनी, त्या संबंदांत हे प्रमाणें उपबंध करीसर, दुसरे अनुसुचींत विनिर्दिश्ट केल्लें वेतन आनी भत्ते दितले.

**187. राज्य विधीमंडळाचें सचिवालय.**—(1) राज्याच्या विधीमंडळाच्या एका सभाघराक वा दर एका सभाघराक वेगळो सचिवालयीन कर्मचारी वर्ग आसतलोः

ताका शर्त अशी कीं, ह्या पोटकलमांतलें कितेंच, विधान परिशद आशिल्ल्या राज्याच्या विधीमंडळाचे बाबतींत अश्या विधीमंडळाच्या दोनूय सभाघरांक सामाईक अशा पदांची निर्मणी करपाक वा हातूंतली खंयचीच बाब प्रतिबंधक आसा असो ताचो अर्थ लावचे नात.

(2) राज्याच्या विधीमंडळाच्यान कायद्या वरवीं राज्याच्या विधीमंडळाच्या सभाघराच्या वा सभाघरांच्या सचिवालयीन कर्मचारी वर्गांत भरती वा तातूंत नेमणूक केल्ल्या व्यक्तींच्यो सेवा अटी हांचें विनेमन करूं येता.

(3) पोटकलम (2) खाला राज्य विधीमंडळ उपबंध करीसर राज्यपालाच्यान, विधानसभेचो अध्यक्ष वा विधान परिशदेचो सभापती, जशें आसत तशें, हाचो विचार घेवन उपरांत विधानसभेच्या वा विधान परिशदेच्या सचिवालयीन कर्मचारी वर्गांत भरती आनी तातूंत नेमणूक केल्ल्या व्यक्तींच्यो सेवा अटी हांचें विनेमन करपी नेम करूं येतात, आनी हे प्रमाणें केल्ले कसलेय नेम वयर सांगलां त्या पोटकलमा खाला केल्ल्या खंयच्याय कायद्याच्या उपबंधाचे अधीनतायेन परिणामक आसतले.

*कामकाज चलोवप*

**188. वांगड्यांनी सोपूत घेवप वा दृढकथन करप.**—राज्याचे विधानसभेचो वा विधान परिशदेचो दर एक वांगडी आपणाली सुवात ग्रहण करचे पयलीं राज्यपाला मुखार वा ताणें सोपूत घेवपाक वा दृढकथन करपाक हांच्या संबंदांत नेमिल्ले खंयचेय व्यक्ती मुखार, तिसरे अनुसुचींत ह्या प्रयोजना खातीर दिल्ल्या नमुन्या प्रमाणें सोपूत घेवन वा दृढकथन करून ताचे खाला निशाणी करतलो.

**189. सभाघरांतलें मतदान, सुवात रिती आसत तेन्ना कार्य करपाचो सभाघरांचो अधिकार आनी गणपुर्ती.**—(1) ह्या संविधानांत हेर भशेन उपबंध केल्या आसत तितलें सोडून हेर बाबींनी, राज्य विधीमंडळाच्या सभाघराचे खंयचेय बसकेंतले सगले प्रस्न अध्यक्ष वा सभापती, वा त्या नात्यान कार्य करपी व्यक्ती हांचे भायर हेर हाजीर आशिल्ल्या आनी मतदान करपी वांगड्यांच्या भोवमतान निर्णीत करतले.

अध्यक्ष वा सभापती, वा त्या नात्यान कार्य करपी व्यक्ती पयले खेपे मतदान करची ना, पूण मतां समसमान जाल्यार, तिका निर्णायक मत दिवपाचो अधिकार आसतलो आनी तो अधिकार ती वापरतली.

(2) राज्य विधीमंडळाच्या सभाघराच्या वांगडीपणांत खंयचीय सुवात रिती आसली तरी त्या सभाघराक कार्य करपाचो अधिकार आसतलो, आनी राज्य विधीमंडळांतलें कसलेंय कामकाज, त्या कामकाजाच्या वेळार थंय सुवातेर बसपाचो वा मतदान करपाचो वा हेर तरेन भाग घेवपाचो जिका हक्क नाशिल्लो अशे कोणेय व्यक्तीन तशें केलां हें मागीर दिसलें तरीय कायदेशीर उरतलें.

[1][(3) राज्य विधीमंडळ कायद्या वरवीं वा हेर तरेन उपबंध करीसर, राज्य विधीमंडळाच्या सभाघराची सभा जावपा खातीर लागपी गणसंख्या ही, धा वांगडी वा त्या सभाघराचे वट्ट वांगडी संख्येचो एक-दशांश हांचे मदीं जी संख्या व्हड आसत तितली आसतली.

(4) राज्याचे विधानसभेची वा विधान परिशदेची सभा चालू आसत तेन्ना खंयच्याय वेळार गणपुर्ती जाल्ली नासत जाल्यार, सभाघर तहकूब करप वा गणपुर्ती जायत मेरेन सभा स्थगीत करप हें अध्यक्षाचें वा सभापतीचें वा त्या नात्यान कार्य करपी व्यक्तीचें कर्तव्य आसतलें.]

---

[1] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 31 (तारीख अधिसुचीत करूंक ना) वरवीं काडलें. हो बदल संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 45 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलो.

*वांगड्यांच्यो अपात्रतायो*

**190. सुवात रिती करप.**—(1) कोणूय व्यक्ती राज्य विधीमंडळांच्या दोनूय सभाघरांचो वांगडी आसची ना आनी जी व्यक्ती दोनूय सभाघरांचो वांगडी म्हूण वेंचिल्ली आसत जाल्यार तिणें दोनां मदल्या खंयच्याय एका सभाघरांतली आपणाली सुवात रिती करची हे खातीर राज्य विधीमंडळा कडल्यान कायद्या वरवीं उपबंध करतले.

(2) खंयचीच व्यक्ती पयले अनुसुचींत विनिर्दिश्ट केल्ल्या राज्यां मदीं दोन वा चड राज्यांच्या विधीमंडळांचो वांगडी म्हूण वेंचून गेल्यार, राष्ट्रपतीन केल्ल्या नेमांत[1] विनिर्दिश्ट करतले असो कालावधी सोंपना फुडें अश्या सगल्या राज्यांच्या विधीमंडळांतली ते व्यक्तीची सुवात रिती जातली, मात तिणें ते पयलीं एक सोडून सगल्या राज्यांच्या विधीमंडळांतले आपणाले सुवातेचो राजिनामो दिल्लो आसल्यार बाब वेगळी जातली.

(3) राज्याच्या विधीमंडळाच्या सभाघराचो वांगडी—

(क) [2][अनुच्छेद 191चें पोटकलम (1) आनी (2)] हातूंत उल्लेखिल्ल्यां मदले खंयचेय अपात्रताये अधीन जायत जाल्यार; वा

[3][(ख) अध्यक्षाक वा सभापतीक जशें आसत तशें, स्वाक्षरीत बरपा वरवीं आपणाले सुवातेचो राजिनामो दितलो आनी अध्यक्ष वा सभापती, जशें आसत तशें ताचो राजिनामो स्विकारीत जाल्यार,]

ताचे उपरांत ताची सुवात रिती जातली:

[4][ताका शर्त अशी कीं, उप-पोटकलम (ख) हातूंत निर्देशिल्ल्या खंयच्याय राजिनाम्याच्या संबंदांत, मेळिल्ले माहिती वयल्यान वा हेर तरेन, आनी स्वताक योग्य दिसत अशी चवकशी केल्या उपरांत जर, असो राजिनामो आपखोशेन वा प्रामाणीकपणान दिल्लो ना अशी अध्यक्षाची वा सभापतीची, जशें आसत तशें, खात्री जाली जाल्यार, तो असो राजिनामो स्विकारचो ना.]

(4) राज्याच्या विधीमंडळाच्या सभाघराचो वांगडी सभाघराचे अनुज्ञे बगर साठ दिसांच्या कालावधींत त्या सभाघराच्या सगल्या बसकांक गैरहाजीर रावलो जाल्यार, सभाघराक ताची सुवात रिती आसा अशें घोशीत करूंक मेळटलें:

ताका शर्त अशी कीं, साठ दिसांचो वयर सांगला तो कालावधी मेजतना जेन्ना सभाघराची सत्रसमाप्ती जाल्ली आसत वा फाटोफाट चार दिसां परस चड काळ तें तहकूब आसत असो कसलोच कालावधी हिशबाक धरचे नात.

---

[1] विधी मंत्रालयाची अधिसुचोवणी क्र. F. 46/50-C, तारीख 26 जानेवारी, 1950, भारत राजपत्र, असादारण, पा. 678चेर उजवाडा आयिल्लो एककालीन वांगडीपण प्रतिरोध नेम, 1950 पळोवचें.

[2] संविधान (बावनावो बदल) अधिनेम, 1985, कलम 4 (1-3-1985 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "अनुच्छेद 191चें पोटकलम (1)" हे सुवातेर घालें.

[3] संविधान (तेत्तिसावो बदल) अधिनेम, 1974, कलम 3 (19-5-1974 हे तारखे सावन लागू) वरवीं घालें.

[4] कित्तो- कलम 3 (19-5-1974 हे तारखे सावन लागू) वरवीं घालें.

**191. वांगडीपणा विशींच्यो अपात्रतायो.**—(1) कोणूय व्यक्ती राज्याचे विधानसभेचो वा विधान परिशदेचो वांगडी म्हूण वेंचणूक जावपाक आनी तसो वांगडी म्हूण रावपाक फुडल्या कारणांक लागून अपात्र थारतलो, तीं अशीं—

[1][(क) जें लाभपद ताच्या धारकाक अपात्र करपी ना अश्या पयले अनुसुचींत विनिर्दिश्ट केल्ल्या खंयच्याय राज्याच्या विधीमंडळान कायद्या वरवीं घोशीत केलां ताचे परस वेगळें अशें, भारत सरकाराच्या वा त्या राज्याच्या सरकाराचे अखत्यारे खालचें कसलेंय लाभपद तिणें धारण केलां आसत जाल्यार;]

(ख) ती मनोविकल आसत वा सक्षम न्यायालया कडल्यान तशी घोशीत जाल्ली आसत जाल्यार;

(ग) ती अविमुक्त नादार व्यक्ती आसत जाल्यार;

(घ) ती भारताची नागरीक नासत वा तिणें आपखोशेन परकी देशाचें नागरिकत्व मेळयलां आसत, वा तिणें परकी देशाक निश्ठा वा इमान दिलां अशे कसलेय अभिस्विकृतीन ती बांदिल्ली आसत जाल्यार;

(ङ) ती संसदेन केल्ल्या खंयच्याय कायद्या वरवीं वा ताचे खाला हे प्रमाणें अपात्र जाल्ली आसत जाल्यार.

[2][*फोडणिशी.*—ह्या पोटकलमाच्या प्रयोजना खातीर], कोणूच व्यक्ती संघराज्याची वा पयले अनुसुचींत विनिर्दिश्ट केल्ल्या खंयच्याय राज्याचो मंत्री आसा इतल्याच कारणान, ती भारत सरकाराचे वा अश्या खंयच्याय राज्याच्या सरकाराचे अखत्यारे खालचें लाभपद धारण करता अशें मानचे नात.

[3][(2) ती ह्या संविधानाचे धावे अनुसुचीचे अधीनतायेन जर अशे तरेन अपात्र थारत जाल्यार खंयच्याय राज्याचे विधानसभे खातीर वा विधान परिशदे खातीर वांगडी जावपाक अपात्र थारतली.]

[4][**192. वांगड्यांच्या अपात्रतायां विशींच्या प्रस्नांचेर निर्णय.**—(1) खंयच्याय राज्य विधीमंडळाच्या सभाघराचो कोणूय वांगडी अनुच्छेद 191चे पोटकलम (1) हातूंत नमूद केल्ल्यांतले खंयचेय अपात्रताये अधीन जाला काय कितें हे संबंदीं कसलोय प्रस्न उप्रासल्यार, तो प्रस्न राज्यपाला कडेन निर्णया खातीर निर्देशीत करतले आनी ताचो निर्णय निमाणो आसतलो.

---

[1] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 32 (तारीख अधिसुचीत करूंक ना) वरवीं "(क) जें लाभपद ताच्या धारकाक अपात्र करपी ना अशें पयले अनुसुचींत विनिर्दिश्ट केल्ल्या खंयच्याय राज्याच्या विधीमंडळान कायद्या वरवीं घोशीत केलां ताचे परस वेगळें अशें, भारत सरकाराच्या वा त्या राज्याच्या सरकाराचे अखत्यारी खालचें कसलेंय लाभपद ताणें धारण केलां आसत जाल्यार" हे सुवातेर घालें. हो बदल संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 45 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलो.

[2] संविधान (बावनावो बदल) अधिनेम, 1985, कलम 5 (1-3-1985 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "(2) ह्या अनुच्छेदाच्या प्रयोजना खातीर" हे सुवातेर घालें.

[3] कित्तो- कलम 5 (1-3-1985 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[4] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 33 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 192 हे सुवातेर घालें आनी उपरांत संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 25 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 192 हे सुवातेर घालें.

(2) अशा कसल्याय प्रस्नाचेर कसलोय निर्णय दिवचे पयलीं, राज्यपाल वेंचणूक आयोगाचें मत घेतलो आनी अश्या मता प्रमाणें निर्णय करतलो.]

**193. अनुच्छेद 188 खाला सोपूत घेवचे पयलीं वा द्दढकथन करचे पयलीं वा पात्र नासतना वा अपात्र आसतना सुवातेर बसल्यार आनी मतदान केल्यार दंड.**—जर कोणेय व्यक्तीन, अनुच्छेद 188 खालच्या गरजांक पाळो दिवचे पयलीं वा खंयच्याय राज्याचे विधानसभेच्या वा विधान परिशदेच्या वांगडीपणाक आपूण पात्र वा अपात्र आसा वा संसदेन वा त्या राज्याच्या विधीमंडळान केल्ल्या खंयच्याय कायद्याच्या उपबंधा प्रमाणें त्या सभाघराचो वांगडी म्हूण सुवातेर बसपाची वा मतदान करपाची आपणाक बंदी आसा हें खबर आसतनाय तशें केलें जाल्यार, ज्या ज्या दिसा ती व्यक्ती सुवातेर बशिल्ली आसत वा तिणें मतदान केल्लें आसत त्या दर एका दिसा खातीर पांचशें रुपया इतल्या दंडाक ती पात्र जातली आनी तो दंड राज्याक येणें आशिल्लें देणें म्हूण वसूल करतले.

*राज्य विधीमंडळां आनी तांचे वांगडी हांचे अधिकार,*
*विशेशाधिकार आनी उन्मुक्ती.*

**194. विधीमंडळांचीं सभाघरां आनी तांचे वांगडी आनी समित्यो हांचे अधिकार, विशेशाधिकार आदी.**—(1) ह्या संविधानाचे उपबंध आनी विधीमंडळाचे कार्यपद्धतीचें विनेमन करपी नेम आनी स्थायी आदेश हांचे अधीनतायेन, दर एका राज्याच्या विधीमंडळांत भाशण स्वातंत्र्य आसतलें.

(2) राज्य विधीमंडळाचो खंयचोय वांगडी, विधीमंडळांत वा ताचे खंयचेय समितींत ताणें केल्ल्या कसल्याय वक्तव्याच्या वा ताणें केल्ल्या कसल्याय मतदानाच्या संबंदांत, खंयच्याच न्यायालयांत कसलेच कारवायेक पात्र जावचो ना, आनी खंयचीच व्यक्ती अश्या विधीमंडळाच्या खंयच्याच सभाघराच्या प्राधिकारा वरवीं वा ताचे खाला प्रकाशीत जाल्लो कसलोच अहवाल, कागदपत्र, मतदान आनी कामकाजवृत्त हांचे उजवाडावणे विशीं हे प्रमाणें पात्र जावचो ना.

[1][(3) हेर बाबींनी, राज्य विधीमंडळाचें सभाघर आनी अश्या विधीमंडळाच्या सभाघराचे वांगडी आनी समित्यो हांचे अधिकार, विशेशाधिकार आनी उन्मुक्त्यो हीं तें विधीमंडळ कायद्या वरवीं वेळावेळार

---

[1] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 34 वरवीं घालें, तें सकयल दिल्ले प्रमाणें वाच्चें:

"(3) हेर बाबींनी, राज्य विधीमंडळाचें खंयचेंय सभाघर आनी अश्या विधीमंडळाच्या सभाघराचे वांगडी आनी समित्यो हांचे अधिकार, विशेशाधिकार आनी उन्मुक्ती हीं संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 34 (तारीख अधिसुचीत करूंक ना) वरवीं आरंभा सावन आनी जंय अशें सभाघर, विधानसभा आनी लोकसभेच्या अश्या सभाघरान आनी ताच्या वांगड्यांनी आनी समित्यांनी विकसीत केल्ल्या आनी जंय अशें सभाघर विधान परिशद आसा, थंय राज्यसभेच्या वांगड्यांनी आनी समित्यांनी विकसीत केल्ले प्रमाणें आसतली. हो बदल संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 45 (19-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलो."

थारायतलें अशीं आसतलीं, आनी हे प्रमाणें थारायसर [1][त्या सभाघराक आनी ताच्या वांगड्यांक आनी समित्यांक संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978 हाचें कलम 26 अमलांत येवचे उपबंध निकटपूर्व जीं आशिल्लीं तशीं आसतलीं.]

(4) पोटकलम (1), (2) आनी (3) हांचे उपबंध जशे राज्य विधीमंडळाच्या वांगड्यांच्या संबंदांत लागू आसात तशे ते, ह्या संविधानाच्या आदारान त्या विधीमंडळाच्या सभाघरांत वा ताचे खंयचेय समितींत भाशण करपाचो वा हेर तरेन तिच्या कामकाजांत भाग घेवपाचो अधिकार आशिल्ले व्यक्तीच्या संबंदांत लागू आसतले.

**195. वांगड्यांचीं वेतनां आनी भत्ते.**—राज्याचे विधानसभेचे आनी विधान परिशदेचे वांगडी हे राज्याचें विधीमंडळ कायद्या वरवीं वेळावेळार थारायतलें अशीं वेतनां आनी भत्ते मेळपाक आनी, ते संबंदीं हे प्रमाणें उपबंध जायत मेरेन, ह्या संविधानाच्या आरंभाचे निकटपूर्व समनुरूप प्रांताचे विधानसभेच्या वांगड्यांक लागू आशिल्ल्या अशा दरांनी आनी अश्या अटींचेर वेतनां आनी भत्ते मेळपाक हकदार आसतले.

*वैधानीक कार्यपद्दत*

**196. विधेयकां मांडप आनी पास करप हे संबंदीं उपबंध.**—(1) अर्थविधेयकां आनी हेर वित्तीय विधेयकां हांचे विशीं अनुच्छेद 198 आनी 207 हातूंत आशिल्ल्या उपबंधांचे अधीनतायेन जाका विधान परिशद आसा अश्या राज्य विधीमंडळाच्या खंयच्याय सभाघरांत विधेयकाचो आरंभ जावं येता.

(2) अनुच्छेद 197 आनी 198 हांच्या उपबंधांचे अधीनतायेन, विधान परिशद आशिल्ल्या राज्यांच्या विधीमंडळांच्या सभाघरांनी कसलेंय विधेयक दोनूय सभाघरांनी ताचेर बदला बगर वा सहमती जाल्ल्या अशाच बदला सयत, सहमती जाल्या बगर, दोनूय सभाघरांनी तें पास केलें अशें मानचे नात.

(3) राज्याच्या विधीमंडळांत प्रलंबीत आशिल्लें विधेयक ताच्या सभाघराची वा सभाघरांची सत्र समाप्ती जाल्ल्या कारणान नूल जावचें ना.

(4) राज्याचे विधान परिशदेंत प्रलंबीत आशिल्लें जें विधेयक विधानसभेन पास केल्लें नासत तें विधेयक विधानसभा बरखास्त जाली जाल्यार नूल जावचें ना.

(5) जें विधेयक राज्याचे विधानसभेंत प्रलंबीत आसत, वा विधानसभे कडल्यान पास जावन विधान परिशदेंत प्रलंबीत आसत तें विधेयक विधानसभा बरखास्त जाली जाल्यार नूल जातलें.

**197. अर्थ विधेयकां परस वेगळ्या विधेयकां संबंदीं विधान परिशदेच्या अधिकारांचेर निर्बंध.**—(1) विधान परिशद आशिल्ल्या राज्याचे विधानसभेन कसलेंय विधेयक पास करून विधान परिशदे कडेन धाडले उपरांत जर—

---

[1] संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 26 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं विशिश्ट उतरांचे सुवातेर घालें.

(क) तें विधेयक विधान परिशदेन अस्विकार केलें जाल्यार; वा

(ख) तें विधेयक विधान परिशदे मुखार दवरिल्ल्याचे तारखे सावन तें तिचे कडल्यान पास जायनासतना तीन म्हयन्यां परस चड काळ गेला आसत जाल्यार; वा

(ग) तें विधेयक विधान परिशदेन बदलां सयत पास केलें आनी ते बदल विधानसभेन संमत केले नात जाल्यार;

विधानसभेच्यान विधान परिशदेन केल्ले, सुचयिल्ले वा संमत केल्ले थोडे बदल आसल्यार तांचे सयत वा तांचे बगर तें विधेयक त्याच वा उपरांतच्या खंयच्याय सत्रांत, आपणाले कार्यपद्दतीचें विनेमन करपी नेमांचे अधीनतायेन, परतून पास करूं येता आनी मागीर हे प्रमाणें पास जाल्लें विधेयक विधान परिशदे कडेन धाडूं येता.

(2) कसलेंय विधेयक विधानसभेन हे प्रमाणें दुसरे फावटीं पास करून विधान परिशदे कडेन धाडले उपरांत जर—

(क) तें विधेयक विधान परिशदेन अस्विकार केलें जाल्यार; वा

(ख) तें विधेयक विधान परिशदे मुखार दवरिल्ल्याचे तारखे सावन तें तिचे कडल्यान पास जायनासतना एका म्हयन्या परस चड काळ गेलो जाल्यार; वा

(ग) तें विधेयक विधान परिशदेन बदलां सयत पास केलें आनी ते बदल विधानसभेन पास केले नात जाल्यार;

विधान परिशदेन केल्ले वा सुचयिल्ले आनी विधानसभेन संमत केल्ले अशे थोडे बदल आसल्यार तांचे सयत विधानसभेन दुसरे फावटीं तें विधेयक जशें पास केलें त्या रुपांत तें राज्य विधीमंडळाच्या सभाघरांनी पास केलां अशें मानतले.

(3) ह्या अनुच्छेदांतली खंयचीच बाब अर्थ विधेयकाक लागू आसची ना.

**198. अर्थ विधेयकां संबंदीं खाशेली कार्यपद्धत.**—(1) अर्थ विधेयक विधान परिशदेंत मांडचे नात.

(2) विधान परिशद आशिल्ल्या राज्याचे विधानसभेन अर्थ विधेयक पास केल्या उपरांत तें विधान परिशदे कडेन तिच्या शिफारशीं खातीर धाडटले, आनी तें विधेयक मेळिल्ल्याचे तारखे सावन चवदा दिसांच्या कालावधी भितर विधान परिशद आपणाल्या शिफारशीं सयत तें विधानसभे कडेन परत धाडटली, आनी ताचे उपरांत विधानसभेच्यान विधान परिशदेच्यो सगल्यो वा तांचे भितरल्यो खंयच्योय शिफारशी स्विकारूं येतात वा न्हयकारूं येतात.

(3) विधानसभेन विधान परिशदेच्या शिफारशीं भितरल्यो खंयच्योय शिफारशी स्विकारल्यो जाल्यार, अर्थ विधेयक विधान परिशदेन शिफारस केल्ल्या आनी विधानसभेन स्विकारिल्ल्या बदलां सयत दोनूय सभाघरांनी पास केलें अशें मानतले.

(4) विधानसभेन विधान परिशदेच्या शिफारशीं मदल्यो खंयच्योय शिफारशी स्विकारल्यो नात

जाल्यार, अर्थ विधेयक विधानसभेन जशें पास केल्लें तशा स्वरुपांत विधान परिशदेन शिफारस केल्ल्यां मदल्यांतल्या खंयच्याच बदलां बगर तें दोनूय सभाघरांनी पास केलें अशें मानताले.

(5) जर विधानसभेन पास केल्लें आनी विधान परिशदे कडेन तिच्या शिफारशीं खातीर धाडिल्लें, अर्थ विधेयक वयर सांगलां त्या चवदा दिसांच्या कालावधी भितर विधानसभे कडेन परतें धाडलें ना जाल्यार, वयर सांगला तो कालावधी सोंपतकूच, तें विधानसभेन जशें पास केल्लें तश्या रुपांत तें दोनूय सभाघरांनी पास केलें अशें मानतले.

**199. "अर्थ विधेयक" हाची व्याख्या.**—(1) ह्या प्रकरणाच्या प्रयोजना खातीर, खंयच्याय विधेयकांत फकत फुडल्या सगल्या वा तातूंतले खंयचेय बाबी कडेन संबंदीत आशिल्ले उपबंध आसपावीत आसले जाल्यार तें अर्थ विधेयक आसा अशें मानतले, त्यो बाबी अश्योः—

(क) कसलोय कर लावप, तो रद्द करप, तो माफ करप, तातूंत फेरबदल करप, वा ताचें विनेमन करप;

(ख) राज्य सरकारान दुडू उशणो घेवप वा कसलीय हमी दिवप हांचें विनेमन, वा राज्य सरकारान पत्करिल्ल्या वा पत्करपाच्या खंयच्याय वित्तीय आबंधनां संबंदींच्या कायद्यांत बदल;

(ग) राज्याचो एकवटीत निधी वा आकस्मीकताय निधी हांची अभिरक्षा करप, अशा कसल्याय निधींत दुडवांचो भरणो करप वा तातूंतल्यान दुडू काडप;

(घ) राज्याच्या एकवटीत निधींतल्यान दुडवांचें विनियोजन;

(ङ) कसलोय खर्च राज्याच्या एकवटीत निधीचेर प्रभारीत आशिल्लो खर्च म्हूण घोशीत करप, वा अश्या कसल्याय खर्चाची रक्कम वाडोवप;

(च) राज्याच्या एकवटीत निधीच्या वा राज्याच्या लोकलेख्याच्या खात्यांत दुडवांची आवक ना अश्या दुडवांची अभिरक्षा वा जावक; वा

(छ) उप-पोटकलम (क) ते (च) हातूंत विनिर्दिश्ट केल्ल्यांतले कसलेय बाबीक अनुशंगीक आशिल्ली कसलीय बाब.

(2) कसलेंय विधेयक हें द्रव्यदंड वा हेर द्रव्यशास्ती बसोवपा खातीर, वा परवानो फीची वा दिल्ले सेवेचे फीची मागणी वा भरणी हाचे खातीर उपबंध करता इतल्याच कारणान, वा खंयच्याय थळाव्या प्राधिकरणान वा निकायान थळाव्या प्रयोजनां खातीर कसलोय कर लावप, तो रद्द करप, तो माफ करप, तातूंत फेरबदल करप वा ताचें विनेमन करप हाचे खातीर उपबंध करता इतल्याच कारणा वयल्यान तें अर्थ विधेयक आसा अशें मानचे नात.

(3) जंय विधान परिशद आसा अश्या राज्याच्या विधीमंडळांत मांडिल्लें कसलेंय विधेयक हें अर्थ विधेयक आसा वा ना असो प्रस्न उप्रासल्यार अश्या राज्याचे विधानसभेच्या अध्यक्षाचो ताचे वयलो निर्णय हो निमाणो आसतलो.

(4) दर एक अर्थ विधेयक अनुच्छेद 198 खाला विधान परिशदे कडेन धाडटले आनी जेन्ना अनुच्छेद 200 खाला राज्यपाला मुखार ताचे अनुमती खातीर दवरतले तेन्ना तें अर्थ विधेयक आसा अशें विधानसभेच्या अध्यक्षाचे निशाणेचें प्रमाणपत्र ताचेर पृश्ठांकीत केल्लें आसतलें.

**200. विधेयकांक अनुमती.**—कसलेंय विधेयक राज्याचे विधानसभे कडल्यान पास जाल्लें आसत वा विधान परिशद आशिल्ल्या राज्याच्या संबंदांत, राज्याच्या विधीमंडळाच्या दोनूय सभाघरां कडल्यान पास जाल्लें आसत तेन्ना, तें राज्यपाला मुखार दवरतले आनी राज्यपाल एक तर आपूण त्या विधेयकाक अनुमती दितां अशें घोशीत करतलो वा ताका अनुमती आडावन धरतां वा तें विधेयक राष्ट्रपतीच्या विचारा खातीर राखून दवरतां अशें घोशीत करतलो:

ताका शर्त अशी कीं, विधेयक राज्यपाला मुखार अनुमती खातीर दवरले उपरांत तें अर्थ विधेयक नासत जाल्यार, जाता तितले बेगीन, ताच्यान तें विधेयक सभाघरा कडेन वा सभाघरां कडेन संदेशा सयत परतें धाडून विनंती करूं येता कीं, तांणी त्या विधेयकाचो वा तातूंतल्या खंयच्याय विनिर्दिश्ट उपबंधांचो फेरविचार करचो आनी, खास करून, तो आपणाल्या संदेशांत जांची शिफारस करीत अशे कसलेय बदल करपाचे योग्यतायेचो विचार करचो आनी विधेयक हे प्रमाणें परतें धाडटले तेन्ना, सभाघर वा सभाघरां त्या विधेयकाचेर ते प्रमाणें फेरविचार करतलीं, आनी जर तें विधेयक सभाघरान वा सभाघरांनी बदला सयत वा ताचे बगर परतेंय पास केलें आनी राज्यपाला मुखार अनुमती खातीर दवरलें जाल्यार, राज्यपाल अनुमती आडावन दवरचो ना:

ताका आनीक शर्त अशी कीं, राज्यपालाच्या मतान जें विधेयक कायद्याच्या रुपांत आयल्यार तें उच्च न्यायालयाचे अधिकार अशे तरेन उणायतलें कीं जे वरवीं त्या न्यायालयाक जी सुवात आसची अशें ह्या संविधानांत संकल्पीत आसा तें घाताक येतलें, अश्या कसल्याच विधेयकाक राज्यपाल अनुमती दिवचो ना, आनी तें राष्ट्रपतीच्या विचारा खातीर राखून दवरतलो.

**201. विचारा खातीर राखून दवरिल्लीं विधेयकां.**—जेन्ना राज्यपालान कसलेंय विधेयक राष्ट्रपतीच्या विचारा खातीर राखून दवरलां आसत तेन्ना, राष्ट्रपती एक तर आपूण त्या विधेयकाक अनुमती दितां अशें घोशीत करतलो वा ताचे पसून अनुमती आडावन दवरतां अशें घोशीत करतलो:

ताका शर्त अशी कीं, तें विधेयक अर्थ विधेयक नासत जाल्यार, राष्ट्रपतीच्यान अनुच्छेद 200च्या पयल्या परंतुकांत उल्लेखिल्ल्या अशा संदेशा सयत तें विधेयक राज्याच्या विधीमंडळाच्या सभाघरा कडेन वा सभाघरां कडेन, जशें आसत तशें, परतें धाडपाचो निदेश राज्यपालाक दिवं येता आनी, कसलेंय विधेयक हे प्रमाणें परतें धाडटले तेन्ना, असो संदेश मेळिल्ल्याचे तारखे सावन स म्हयन्यांच्या कालावधी भितर, सभाघर वा सभाघरां ते प्रमाणें फेरविचार करतलीं आनी, जर तें विधेयक सभाघरान वा सभाघरांनी बदला सयत वा ताचे बगर परतून पास केलें जाल्यार, राष्ट्रपती मुखार ताच्या विचारा खातीर परतून दवरतले.

*वित्तीय विशयां संबंदीं कार्यपद्दत*

**202. वर्सुकें वित्तीय विवरणपत्र.**—(1) राज्यपाल दर एका अर्थीक वर्सा संबंदीं, राज्याची त्या वर्सा पुरती वर्सुकी येणावळ आनी खर्च हांचें, ह्या भागांत "वर्सुकें वित्तीय विवरणपत्र" म्हूण निर्दिश्ट केल्लें विवरणपत्र राज्याच्या विधीमंडळाच्या सभाघरा मुखार वा सभाघरां मुखार दवरूंक लायतलो.

(2) वर्सुक्या वित्तीय विवरणपत्रांत दिल्ल्या खर्चाच्या अदमासपत्रकांत—

(क) राज्याच्या एकवटीत निधीचेर प्रभारीत आशिल्लो खर्च म्हूण ह्या संविधानान वर्णिल्लो खर्च भागोवपा खातीर गरजेच्यो आशिल्ल्यो रकमो; आनी

(ख) राज्याच्या एकवटीत निधींतल्यान हेर खर्च भागोवपा खातीर प्रस्तावीत केल्ली रक्कम,

आनी म्हासुली लेख्या वयलो खर्च हेर खर्चा परस वेगळो दाखयतले.

(3) फुडलो खर्च दर एका राज्याच्या एकवटीत निधीचेर प्रभारीत असो खर्च आसतलो—

(क) राज्यपालाचे परिलाभ तशेंच भत्ते आनी ताच्या पदा संबंदींचो हेर खर्च;

(ख) विधानसभेचो अध्यक्ष तशेंच उपाध्यक्ष हांचे आनी विधान परिशद आशिल्ल्या राज्यांच्या संबंदांत, विधान परिशदेचो सभापती तशेंच उप-सभापती हांचीं़य वेतनां आनी भत्ते;

(ग) राज्याचें दायित्व आसा अशे कळंतर, रीण निवारण निधी आकार तशेंच सोडवणी आकार हांचे सयत रीणां काडप आनी देण्याचें प्रबंधन आनी सोडवणी हांचे संबंदीत हेर खर्च;

(घ) खंयच्याय उच्च न्यायालयाच्या न्यायाधिशांचीं वेतनां आनी भत्ते हांचे संबंदांतलो खर्च;

(ङ) खंयच्याय न्यायालयाचो वा लवाद अधिकरणाचो कसलोय न्यायनिर्णय, हुकूमनामो वा निवाडो हाची पुर्तताय करपा खातीर गरजेच्यो आशिल्ल्यो कसल्योय रकमो;

(च) जो खर्च हे प्रमाणें प्रभारीत आसा अशें ह्या संविधाना वरवीं वा राज्य विधीमंडळान कायद्या वरवीं घोशीत केलां आसत असो हेर कसलोय खर्च.

**203. अदमासपत्रका संबंदांत विधीमंडळांतली कार्यपद्धत.**—(1) अदमासपत्रकांतलो जितलो भाग राज्याच्या एकवटीत निधीचेर प्रभारीत आशिल्ल्या खर्चा कडेन संबंदीत आसत तितलो भाग विधानसभेच्या मताक दवरचे नात, पूण विधीमंडळांत तातूंतल्या खंयच्याच अदमासाचेर चर्चा जावपाक ह्या पोटकलमांतली खंयचीच बाब प्रतिबंधक आसा असो तिचो अर्थ लावचे नात.

(2) वयल्या अदमासपत्रकांतलो जितलो भाग हेर खर्चा कडेन संबंदीत आसत तितलो भाग अनुदाना खातीरच्या मागण्यांच्या रुपान विधानसभे मुखार दवरतले, आनी विधानसभेक खंयचेय मागणेक अनुमती दिवपाचो वा न्हयकारपाचो वा तातूंत विनिर्दिश्ट केल्ले रकमेंत कपात करून ते मागणेक अनुमती दिवपाचो अधिकार आसतलो.

(3) अनुदाना खातीरची कसलीय मागणी राज्यपालाची शिफारस आसल्या बगर करचे नात.

**204. विनियोजन विधेयकां.**—(1) विधानसभेन अनुच्छेद 203 खाला अनुदानां मंजूर केल्या उपरांत जाता तितले बेगीन—

(क) विधानसभेन हे प्रमाणें मंजूर केल्लीं अनुदानां; आनी

(ख) राज्याच्या एकवटीत निधीचेर प्रभारीत आशिल्ल्या, पूण कितेंय जालें तरी सभाघरा मुखार वा सभाघरां मुखार हाचे आदीं दवरिल्ल्या विवरणपत्रांत दाखयिल्ल्या खर्चा परस जो चड आसचो ना असो खर्च, भागोवपा खातीर गरजेच्या आशिल्ल्या सगल्या दुडवांचें राज्याच्या एकवटीत निधींतल्यान विनियोजन करपाचे उपबंध करपा खातीर एक विधेयक मांडटले.

(2) ज्या बदलाचो परिणाम म्हूण हे भशेन मंजूर केल्ली कसल्याय अनुदानाची रक्कम उणी-चड जायत वा पुर्वोद्दिश्टांत फेरबदल जायत वा राज्याच्या एकवटीत निधीचेर प्रभारीत केल्ल्या कसल्याय खर्चाची रक्कम उणी-चड जायत असो कसलोच बदल राज्याच्या विधीमंडळाच्या सभाघरांत वा दोनांतल्या खंयच्याच सभाघरांत प्रस्तावीत करचे नात, आनी ह्या पोटकलमा प्रमाणें कसलोय बदल अस्विकार्य आसा काय कितें हे संबंदांतलो अध्यक्षस्थानार आशिल्ले व्यक्तीचो निर्णय निमाणो आसतलो.

(3) अनुच्छेद 205 आनी 206 हांच्या उपबंधाचे अधीनतायेन, ह्या अनुच्छेदा प्रमाणें पास जाल्ल्या कायद्या वरवीं विनियोजन केल्लें आसल्या बगर राज्याच्या एकवटीत निधींतल्यान कसलोच दुडू काडचे नात.

**205. पुरक, अतिरिक्त वा अदीक अनुदानां.**—(1) जर,—

(क) अनुच्छेद 204च्या उपबंधां प्रमाणें केल्ल्या खंयच्याय कायद्या वरवीं चालू वित्तीय वर्सांत कसलेय खाशेले सेवे खातीर खर्च करपाची म्हूण प्राधिकृत केल्ली रक्कम त्या वर्साच्या प्रयोजना खातीर पावपा इतली ना अशें दिसलें जाल्यार वा चालू वित्तीय वर्साच्या वर्सुक्या वित्तीय विवरणपत्रांत जिचे संबंदीं पयलीं अदमास बांदूक नाशिल्लो अशे एके नवे सेवे खातीर पुरक वा अतिरिक्त खर्चाची त्या वर्सांत गरज उप्रासली आसत तेन्ना; वा

(ख) खंयच्याय वित्तीय वर्सांत कसलेय सेवेचेर ते सेवे खातीर आनी त्या वर्सा खातीर मंजूर जाल्ले रकमे परस थोडो चड दुडू खर्च जाल्लो आसत जाल्यार,

राज्यपाल, राज्य विधीमंडळाच्या सभाघरा मुखार वा सभाघरां मुखार त्या खर्चाची अदमासीत रक्कम दाखोवपी दुसरें विवरणपत्र दवरूंक वा राज्याचे विधानसभे मुखार अशे चड रकमेची मागणी करूंक लायतलो.

(2) अनुच्छेद 202, 203 आनी 204 हांचे उपबंध जशे वर्सुकें वित्तीय विवरणपत्र आनी तातूंत नोंद केल्लो खर्च वा अनुदाना खातीरची मागणी आनी असलो खर्च वा अनुदान मागोवपा खातीर राज्याच्या एकवटीत निधींतल्या दुडवांचें विनियोजन प्राधिकृत करपा खातीर करपाचो कायदो हांच्या संबंदांत परिणामक आसत, तशे ते वयर सागलां तसलें कसलेंय विवरणपत्र आनी खर्च वा अशे मागणेच्या संदर्भांतलें अनुदान भागोवपा खातीर राज्याच्या एकवटीत निधींतल्यान दुडवांचें विनियोजन प्राधिकृत करपा खातीर करपाच्या कसल्याय कायद्याच्या संबंदांतूय परिणामक आसतले.

**206. लेखानुदानां, प्रत्ययानुदानां आनी आडवादाचीं अनुदानां.**—(1) ह्या प्रकरणाच्या पुर्वगामी तरतुदींनी कितेंय आसलें तरी, राज्याचे विधानसभेक—

(क) खंयच्याय वित्तीय वर्साच्या खंयच्याय भागा खातीर अदमाशिल्ल्या खर्चा संबंदींच्या कसल्याय अनुदाना वयल्या मतदाना खातीर अनुच्छेद 203त विहीत केल्ले प्रमाणें ती प्रक्रिया पुराय जावन त्या खर्चाच्या संबंदांत अनुच्छेद 204च्या उपबंधां प्रमाणें कायदो पास जायसर असलें कसलेंय अनुदान पयलींच मंजूर करपाचो;

(ख) राज्याचे साधनसंपत्तींतल्यान पूर्ण करपाची कसलीय मागणी ते सेवेचो व्याप वा तिचें अनिश्चीत स्वरूप हांकां लागून वित्तीय विवरणपत्रांत सादारणपणान दितात असल्या तपशिलां सयत नोंद करूंक मेळना तेन्ना, अशी अनपेक्षीत मागणी पूर्ण करपा खातीर अनुदान मंजूर करपाचो;

(ग) जें खंयच्याच वित्तीय वर्साचे चालू सेवेचो भाग जायना अशें आडवादाचें अनुदान मंजूर करपाचो अधिकार आसतलो,

आनी त्या प्रयोजना खातीर वयलीं अनुदानां मंजूर केल्लीं आसत तांचे खातीर राज्याच्या एकवटीत निधींतल्यान दुडू काडप हे कायद्या वरवीं प्राधिकृत करपाचो राज्य विधीमंडळाक अधिकार आसतलो.

(2) अनुच्छेद 203 आनी 204 हांचे उपबंध जशे वर्सुक्या विवरणपत्रांत नमूद केल्ल्या कसल्याय खर्चा संबंदीं अनुदान मंजूर करपाच्या आनी असलो खर्च भागोवपा खातीर राज्याच्या एकवटीत निधींतल्या दुडवांचें विनियोजन प्राधिकृत करपा खातीर करपाच्या कायद्या संबंदांत परिणामक आसात,

तशेच ते पोटकलम (1) खाला कसलेंय अनुदान मंजूर करपाच्या आनी त्या पोटकलमा खाला करपाच्या कसल्याय कायद्याच्या संबंदांत परिणामक आसतले.

**207. वित्तीय विधेयकां संबंदीं खाशेले उपबंध.**—(1) अनुच्छेद 199च्या पोटकलम (1)च्या उप-पोटकलमांतले (क) ते (च) हातूंत विनिर्दिश्ट केल्ले खंयचेय बाबी खातीर उपबंध करपी विधेयक वा बदल राज्यपालाची शिफारस आसले बगर मांडचे नात आनी असो उपबंध करपी विधेयक विधान परिशदेंत मांडचे नात:

ताका शर्त अशी कीं, कसलोय कर उणो करप वा तो रद्द करप हे संबंदीं उपबंध करपी बदल मांडपा खातीर ह्या पोटकलमा खाला कसल्याच शिफारशींची गरज आसची ना.

(2) कसलेंय विधेयक वा बदल हे द्रव्यदंड वा हेर द्रव्यशास्ती बसोवपा खातीर, वा परवानो फी वा दिल्ले सेवे खातीरची फी हांची मागणी वा भरणो हांचे खातीर उपबंध करता इतल्याच कारणान, वा खंयच्याय थळाव्या प्राधिकरणान वा निकायान थळाव्या प्रयोजनां खातीर कसलोय कर लावप, तो रद्द करप, तो माफ करप, तातूंत फेरबदल करप वा ताचें विनेमन करप हाचे खातीर उपबंध करता इतल्याच कारणा वयल्यान, तें वयर सांगल्यात तातूंतले खंयचेच बाबी खातीर उपबंध करता अशें मानचे नात.

(3) जें विधेयक अधिनेमीत केल्यार आनी अंमलांत हाडल्यार खंयच्याय राज्याच्या एकवटीत निधींतल्यान खर्च करचो पडटलो तें विधेयक राज्य विधीमंडळाच्या सभाघराक, तें विचारांत घेवपा खातीर राज्यपालान शिफारस केल्ली आसल्या बगर, संमत करूंक मेळचें ना.

*सर्वसादारणपणान कार्यपद्दत*

**208. कार्यपद्दतीचे नेम.**—(1) राज्य विधीमंडळाच्या सभाघरांत ह्या संविधानाच्या उपबंधांचे अधीनतायेन, आपणाली कार्यपद्धत* आनी कामकाज चलोवप हांचें विनेमन करपा खातीर नेम करूंक मेळटले.

(2) पोटकलम (1) खाला नेम करून जायसर, ह्या संविधानाचे निकटपूर्व समनुरूप प्रांताच्या विधीमंडळा संबंदांत लागू आशिल्ले कार्यपद्धतीचे नेम आनी कायम आदेश हे, विधानसभेचो अध्यक्ष वा विधान परिशदेचो सभापती जशें आसत तशें, तातूंत जीं आपरिवर्तनां वा अनुकुलनां करीत तांचे सयत राज्य विधीमंडळाच्या संबंदांत परिणामक आसतले.

(3) विधान परिशद आशिल्ल्या राज्यांनी राज्यपालाच्यान विधानसभेचो अध्यक्ष आनी विधानसभेचो सभापती हांचो विचार घेतल्या उपरांत दोनूय सभाघरां मदल्या वेव्हारा संबंदींच्या कार्यपद्दतींचें विनेमन करूं येता.

---

* संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 35 (तारीख अधिसुचीत करूंक ना) वरवीं “(सभाघराची बसका घडोवपा खातीर कोरम धरून)” कंस आनी उतरां निविश्ट केलीं. हो बदल संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 45 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलो.

**209. वित्तीय कामकाजा संबंदीं राज्य विधीमंडळाचे कार्यपद्दतीचें कायद्या वरवीं विनेमन.**—राज्य विधीमंडळाच्यान, वित्तीय कामकाज वेळार पूर्ण जावचें हे खातीर, कसलेय वित्तीय बाबीच्या संबंदांत वा राज्याच्या एकवटीत निधींतल्यान दुडवांचें विनियोजन करपा खातीर हाडिल्ल्या कसल्याय विधेयकाच्या संबंदांत राज्य विधीमंडळाचें सभाघर वा सभाघरां हांची कार्यपद्धत आनी तांतूतलें कामकाज चलोवप हांचें कायद्या वरवीं विनेमन करूं येता. आनी हे प्रमाणें केल्ल्या कसल्याय कायद्याचो खंयचोय अनुच्छेद 208च्या पोटकलम (1) खाला राज्य विधीमंडळाच्या सभाघरान वा ताच्या दोनां मदल्या खंयच्याय सभाघरान केल्ल्या खंयच्याच नेमां कडेन वा त्या अनुच्छेदाच्या पोटकलम (2) खाला राज्य विधीमंडळाच्या संबंदांत परिणामक आशिल्ल्या खंयच्याय नेमां कडेन वा कायम आदेशां कडेन विसंगत आसत जाल्यार, आनी तितले मर्यादे मेरेन असो उपबंध चड प्रभावी थारतलो.

**210. विधीमंडळांत वापरपाची भास.**—(1) XVIIव्या भागांत कितेंय आसलें तरी, पूण अनुच्छेद 348च्या उपबंधाचे अधीनतायेन, राज्य विधीमंडळांतलें कामकाज राज्याचे राजभाशेंतल्यान वा राजभाशांतल्यान वा हिंदींतल्यान वा इंग्लीशींतल्यान चलयतले:

ताका शर्त अशी कीं, विधानसभेच्या अध्यक्षाच्यान वा विधान परिशदेच्या सभापतीच्यान, जशें आसत तशें वा त्या नात्यान कार्य करपी व्यक्तीच्यान ज्या कोणाय वांगड्याक वयर सांगल्यात तांचे मदले खंयचेय भाशेंत आपणाले विचार समुचीत रितीन उकतावंक येना आसतीत, ताका आपणाले आवयभाशेंत सभाघराक लेखून भाशण करपाची अनुज्ञा दिवं येता.

(2) राज्य विधीमंडळान कायद्या वरवीं दुसरे तरेन उपबंध केले ना जाल्यार, ह्या संविधानाच्या आरंभा सावन पंदरा वर्सांचो कालावधी सोंपल्या उपरांत हो अनुच्छेद, तातूंतले "वा इंग्लीशींत" हीं उतरां जशे परीं काडून उडयल्यांत जातलें, ते प्रमाण परिणामक जातलें:

[1][ताका शर्त अशी कीं, [2][हिमाचल प्रदेश, मणिपूर, मेघालय आनी त्रिपुरा ह्या राज्यांच्या विधीमंडळांच्या संबंदांत], ह्या पोटकलमांत आयिल्ल्या "पंदरा वर्सां" ह्या शब्दोल्लेखाचे सुवातेर जशे परीं "पंचवीस वर्सां" असो शब्दोल्लेख घाला आसूं येता ते प्रमाणें तें पोटकलम परिणामक जातलें:]

[3][ताका आनीक शर्त अशी कीं, [4][[5][अरुणाचल प्रदेश, गोंय आनी मिझोराम] ह्या राज्यांच्या विधानसभांच्या] संबंदान, ह्या पोटकलमांत आयिल्ल्या "पंदरा वर्सां" ह्या उतरांचे सुवातेर जशें कितें "चाळीस वर्सां" हीं उतरां घाल्ले वरी तें पोटकलम प्रभावी जातलें.]

---

[1] हिमाचल प्रदेश राज्य अधिनेम, 1970 (1970चो 53वो), कलम 46 (25-1-1971 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[2] पुर्वोत्तर वाठार (फेररचणूक) अधिनेम, 1971 (1971चो 81वो), कलम 71 (21-1-1972 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "हिमाचल प्रदेश राज्याचें विधानमंडळ" हे सुवातेर घालें.

[3] मिझोराम राज्य अधिनेम, 1986 ( 1986चो 34वो ), कलम 39 (20-2-1987 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[4] अरुणाचल प्रदेश अधिनेम, 1986 (1986चो 69वो), कलम 42 (20-2-1987 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "मिझोराम राज्याचें विधीमंडळ" हे सुवातेर घालें.

[5] गोंय, दमण आनी दीव फेररचणूक अधिनेम, 1987 (1987चो 18वो), कलम 63 (30-5-1987 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "अरुणाचल प्रदेश आनी मिझोराम" हे सुवातेर घालें.

**211. विधीमंडळांतले चर्चेचेर निर्बंध.**—सर्वोच्च न्यायालयाच्या वा उच्च न्यायालयाच्या खंयच्याय न्यायाधिशान आपणालीं कर्तव्यां निभायतना केल्ले वागणुके संबंदीं राज्य विधीमंडळांत कसलीच चर्चा करूंक मेळची ना.

**212. न्यायालयांनी विधीमंडळाच्या कामकाजा संबंदीं चवकशी करिनासप.**—(1) खंयच्याय राज्य विधीमंडळाचे कार्यपद्दतींत कसलीय तथाकथीत नेमा भायली बाब घडल्या ह्या कारणा वयल्यान राज्य विधीमंडळांतल्या कसल्याच कामकाजाची विधीग्राह्यताय प्रस्नास्पद करूंक मेळची ना.

(2) राज्य विधीमंडळांतले कार्यपद्दतीचें वा कामकाज चलोवपाचें विनेमन करपाचे वा विधीमंडळांत सुवेवस्था राखपाचे अधिकार ह्या संविधाना वरवीं वा ताचे खाला जाचे ठांय निहीत केल्ले आसात अशा विधीमंडळाच्या कोणाय अधिकाऱ्यान वा वांगड्यान त्या अधिकारांच्या केल्ल्या वापरां संबंदांत तो खंयच्याच न्यायाधिकारिताये अधीन आसचो ना.

## प्रकरण IV.—राज्यपालाचो विधी अधिकार

**213. विधीमंडळाच्या विरामकाळांत अध्यादेश प्रख्यापीत करपाचो राज्यपालाचो विधी अधिकार.**—(1) राज्याची विधानसभा सत्रासीन आसत तेन्ना सोडून वा खंयच्याय राज्यांत विधान परिशद आसत थंय विधीमंडळाचीं दोनूय सभाघरां सत्रासीन आसतीत तेन्ना सोडून हेर खंयच्याय वेळार राज्यपालान तात्काळ कारवाय करप गरजेचें आसा अश्यो परिस्थिती अस्तित्वांत आसात अशी राज्यपालाची खात्री जाली जाल्यार, ताच्यान परिस्थिती प्रमाणें गरजेचे दिसतले अशे अध्यादेश प्रख्यापीत करूं येतात:

ताका शर्त अशी कीं, राज्यपाल राष्ट्रपतीचे सांगणे बगर असो कसलोच अध्यादेश प्रख्यापीत करचो ना, जर—

(क) तेच उपबंध आशिल्लें खंयचेंय विधेयक ज्या संबंदांत तें विधेयक त्या विधीमंडळांत प्रस्तूत करपा खातीर ह्या संविधाना खाला राष्ट्रपतीची पूर्वमंजुरी लागपाची; वा

(ख) तेच उपबंध आशिल्लें खंयचेंय विधेयक ज्या संबंदीत तें राष्ट्रपतीच्या विचारा खातीर राखून दवरप राज्यपालाक गरजेचें दिसपाचें; वा

(ग) तेच उपबंध आशिल्लो राज्य विधीमंडळाचो कसलोय अधिनेम राष्ट्रपतीच्या विचारा खातीर आरक्षीत दवरून ताका राष्ट्रपतीची अनुमती मेळ्ळी ना जाल्यार ह्या संविधाना खाला तो अधिनेम कायद्या भायलो जावपाचो.

(2) ह्या अनुच्छेदा खाला प्रख्यापीत केल्लो अध्यादेश हो राज्यपालाची अनुमती मेळिल्लो राज्य विधीमंडळाचो कसलोय अधिनेम आसता ते प्रमाणें तितलोच प्रभावी आनी परिणामक आसतलो, पूण असो दर एक अध्यादेश—

(क) राज्याचे विधानसभे मुखार, वा राज्यांत विधान परिशद आसा थंय दोनूय सभाघरां मुखार दवरतले, आनी विधीमंडळाची परतून सभा भरत सावन स सप्तकां सोंपना फुडें, वा तो कालावधी सोंपचे पयलीं तो अमान्य करपी थाराव विधानसभेन पास केलो आनी विधान परिशद आसल्यार ती सहमत जाल्यार थाराव पास जायना फुडें वा विधान त्या थारावा कडेन सहमत जायना फुडें, जशें आसत तशें, तो अध्यादेश लागू आसप बंद जातलें; आनी

(ख) राज्यपालान खंयच्याय वेळार तो फाटीं घेवं येत.

*फोडणिशी.*—विधान परिशद आशिल्ल्या राज्यांच्या विधीमंडळाच्या सभाघरांक परतून सभा घेवपा खातीर वेगळ्या-वेगळ्या तारखांक अभिनिमंत्रीत केल्लें आसतलें तेन्ना ह्या पोटकलमाच्या प्रयोजनां खातीर तांचे मदले मागीरचे तारखे सावन स सप्तकांचो कालावधी मेजतले.

(3) जर आनी जितले मर्यादे मेरेन ह्या अनुच्छेदा खालच्या कसल्याय अध्यादेशांत, ताचो राज्याच्या विधीमंडळान केल्लो आनी राज्यपालाची अनुमती मेळिल्लो अधिनेम जाल्यार, जो खंयचो उपबंध वैध आसचो नाशिल्लो, तो अध्यादेश शून्य आसतलो:

ताका शर्त अशी कीं, राज्य विधीमंडळाचो जो अधिनेम समवर्ती सुचींत नोंद केल्ल्या खंयच्याय विशयाच्या संबंदांतल्या संसदीय अधिनेमाक वा विद्यमान कायद्याक प्रतिकूल आसत ताच्या परिणामा संबंदीं ह्या संविधानांत आशिल्ले उपबंध लागू करतना राष्ट्रपतीच्या अनुदेशां प्रमाणें ह्या अनुच्छेदा खाला प्रख्यापीत केल्लो अध्यादेश म्हणल्यार राष्ट्रपतीच्या विचारा खातीर राखून दवरिल्लो आनी ताणें अनुमती दिल्ली असो राज्य विधीमंडळाचो अधिनेम, अशें त्या तरतुदींच्या प्रयोजना खातीर मानतले.

[1](4) * * * *

---

[1] संविधान (आठ्ठिसावो बदल) अधिनेम, 1975, कलम 3 (पूर्वलक्षी प्रभावान) वरवीं पोटकलम (4) निविश्ट केलें आनी संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 27 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें.

## प्रकरण V.—राज्यांतलीं उच्च न्यायालयां

**214. राज्यां खातीर उच्च न्यायालयां.—**[1]*** दर एका राज्या खातीर एक उच्च न्यायालय आसतलें.

[2](2) * * * *
[2](3) * * * *

**215. उच्च न्यायालयां हीं अभिलेख न्यायालयां आसचीं.—**दर एक उच्च न्यायालय हें अभिलेख न्यायालय आसतलें आनी ताका आपणाल्या अवमाना खातीर ख्यास्त करपाच्या अधिकारा सयत अश्या न्यायालयाचे सगले अधिकार आसतले.

**216. उच्च न्यायालयांची घडण.—**दर एक उच्च न्यायालय हें मुख्य न्यायमुर्ती आनी राष्ट्रपतीक वेळावेळार जांकां नेमप गरजेचें दिसतलें अशे हेर न्यायाधीश मेळून घडिल्लें आसतलें.

[3]* * * * *

**217. उच्च न्यायालयाच्या न्यायाधिशाच्या पदाची नेमणूक आनी अटी.—**(1) [4][अनुच्छेद 124क त सुचयिल्ल्या राष्ट्रीय न्यायीक नेमणूक आयोगाचे सुचोवणे वयल्यान], राष्ट्रपती आपल्या आदेशान, निशाणेन आनी शिक्क्यान उच्च न्यायालयाच्या दर एका न्यायाधिशाची नेमणूक करतलो आनी राज्याचो राज्यपाल आनी मुखेल न्यायाधीश सोडल्यार हेर खंयच्याय न्यायाधिशाचे नेमणुकेचे बाबतींत उच्च न्यायालयाचो मुखेल न्यायाधीश, [5][जशें अनुच्छेद 224त सुचयले प्रमाण, अतिरिक्त वा कार्यकारी न्यायाधीश हांचे बाबतींत आनी हेर खंयच्याय बाबतींत, ताची पिराय [6][बांसठ वर्सां] जायसर ताबो घेतलो:]

ताका शर्त अशी कीं—

(क) अशा न्यायाधिशान राष्ट्रपतीक लेखून बरयिल्ल्या स्वाक्षरीत बरपा वरवीं आपणाल्या पदाचो राजिनामो दिवं येता;

(ख) खंयच्याय न्यायाधिशाक राष्ट्रपतीच्यान अनुच्छेद 124च्या पोटकलम (4) हातूंत

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "(1)" कंस आनी आंकडो काडलो.

[2] कित्तो- कलम 29 (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं पोटकलम (2) आनी (3) काडलें.

[3] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 11 (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं परंतूक काडलें.

[4] संविधान (णव्याण्णवावो बदल) अधिनेम, 2014, कलम 6 (13-4-2015 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "ह्या कारणा खातीर राष्ट्रपतीक गरजेचें दिसत त्या सर्वोच्च न्यायालयाच्या आनी राज्यांच्या उच्च न्यायालयांच्या न्यायाधिशांचे मसलती उपरांत" हे सुवातेर घालें. हो बदल सर्वोच्च न्यायालयान, सुप्रीम कोर्ट एडवोकेट्स-ऑन-रिकॉर्ड असोसिएशन आनी आनीक एकलो आड भारतीय संघराज्य ह्या खटल्यांत 16-10-2015 तारखेच्या निकालान रद्द केलो. AIR 2016 SC 117.

[5] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम 1956, कलम 12 (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "साठ वर्सांची पिराय जायना ते मेरेन पद धारण करतलो" हे सुवातेर घालें.

[6] संविधान (पंदरावो बदल) अधिनेम, 1963, कलम 4(क), (5-10-1963 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "साठ वर्सां" हे सुवातेर घालें.

सर्वोच्च न्यायालयाच्या न्यायाधिशाक पदा वयल्यान काडपा खातीर केल्ले रितीन ह्याय न्यायाधिशाक ताच्या पदा वयल्यान काडूं येता;

(ग) न्यायाधिशाचें पद राष्ट्रपतीन ताची सर्वोच्च न्यायालयाचो न्यायाधीश म्हूण नेमणूक केल्यार वा राष्ट्रपतीन ताची भारताच्या राज्यक्षेत्रांतल्या हेर खंयच्याय उच्च न्यायालयांत बदली केल्यार रितें जातलें.

(2) कोणूय व्यक्ती भारताचो नागरीक आसा, आनी—

(क) तिणें भारताच्या राज्यक्षेत्रांत उणींच तीं धा वर्सां न्यायीक अधिकारपद धारण केलां; वा

(ख) ती [1]*** खंयच्याय उच्च न्यायालयांत वा फाटोफाट अश्या दोन वा चड न्यायालयांनी उणींच तीं धा वर्सां अधिवक्तो आसा. [2]***

[2](ग) * * * * *

अशें आसले बगर ती उच्च न्यायालयाचो न्यायाधीश म्हूण नेमणुकेक पात्र आसची ना.

*फोडणिशी.*—ह्या पोटकलमाच्या प्रयोजना खातीर—

[3][(क) खंयचेय व्यक्तीन भारताच्या राज्यक्षेत्रांत जितलो काळ न्यायीक अधिकारपद धारण केल्लें आसत तो कालावधी मेजतना न्यायीक पद धारण करून जाले उपरांत ज्या खंयच्याय कालावधींत ती व्यक्ती उच्च न्यायालयाचो अधिवक्तो म्हूण राविल्ली आसत वा कायद्याचें विशेश गिन्यान गरजेचें आसपी अश्या संघराज्य वा राज्य हांचे अखत्यारे खालच्या खंयच्याय न्यायाधिकरणाच्या वांगड्यांचें अधिकारपद वा कसलेंय पद तिणें धारण केल्लें आसत तो कालावधी तातूंत आसपावीत करतले;]

[4][(कक)] कोणूय व्यक्ती जितलो काळ उच्च न्यायालयाचो अधिवक्तो जाले उपरांत तिणें ज्या खंयच्याय कालावधींत कायद्याचें खाशेलें गिन्यान गरजेचें आसपी अशें संघराज्य वा राज्य हांचे अखत्यारे खालचें कसलेंय [5][न्यायीक अधिकारपद वा खंयच्याय न्यायाधिकरणाच्या वांगड्याचें अधिकारपद वा कसलेंय पद धारण केल्लें आसत] तो कालावधी तातूंत आसपावीत करतले;

(ख) खंयचेय व्यक्तीन जितलो काळ भारताच्या राज्यक्षेत्रांत न्यायीक अधिकारपद धारण

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पयले अनुसुचींत विनिर्दिश्ट केल्ल्या खंयच्याय राज्यांत" ही उतरां काडलीं.

[2] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 36 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "वा" हें उतर आनी उप-पोटकलम (ग) निविश्ट केलें आनी संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 28 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें.

[3] संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 28 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[4] संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 28 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं पोटकलम (क) हें पोटकलम (कक)च्या रुपांत फेरअक्षरीकृत केलें.

[5] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 36 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "न्यायीक पद धारण केलां आसत जाल्यार" हे सुवातेर घालें.

केल्लें आसत वा ती खंयच्याय उच्च न्यायालयाचो अधिवक्तो आसत तो कालावधी मेजतना ज्या कालावधींत, जशें आसत तशें, गव्हर्नमेण्ट ऑफ इण्डिया ऍक्ट, 1935, हातूंत व्याख्या केल्ल्या अशा भारतांत 15 ऑगश्ट, 1947 ह्या दिसा पयलीं आसपावीत आशिल्ल्या खंयच्याय क्षेत्रांत तिणें न्यायीक अधिकारपद धारण केल्लें आसत वा ती अश्या खंयच्याय क्षेत्रांतल्या उच्च न्यायालयाचो अधिवक्तो आसत, असो ह्या संविधानाच्या आरंभा पयलींचो खंयचोय कालावधी तातूंत आसपावीत करतले.

[1][(3) उच्च न्यायालयाच्या न्यायाधिशाचे पिराये संबंदांत कसलोय प्रस्न उप्रासल्यार, राष्ट्रपती भारताच्या मुख्य न्यायमुर्तीचो विचार घेवन उपरांत त्या प्रश्नाचो निर्णय करतलो आनी राष्ट्रपतीचो निर्णय निमाणो आसतलो.]

**218. सर्वोच्च न्यायालया संबंदींचे थोडे उपबंध न्यायालयांक लागू आसप.**—अनुच्छेद 124चे पोटकलम (4) आनी (5) हांचे उपबंध जशे सर्वोच्च न्यायालया संबंदांत लागू जातात, तशेच ते, सर्वोच्च न्यायालयाच्या संदर्भां जाग्यार उच्च न्यायालयाचे संदर्भ घालून उच्च न्यायालयाच्या संबंदांत लागू जातले.

**219. उच्च न्यायालयाच्या न्यायाधिशांनी सोपूत घेवप वा दृढकथन करप.**—[2]*** उच्च न्यायालयाचो न्यायाधीश म्हूण नेमणूक जाल्ली दर एक व्यक्ती आपलें पद ग्रहण करचे पयलीं राज्याच्या राज्यपाला मुखार वा ताणें सोपूत वा दृढकथन हांच्या संबंदांत नेमिल्ले खंयचेय व्यक्ती मुखार तिसरे अनुसुचींत त्या प्रयोजना खातीर दिल्ल्या नमुन्या प्रमाणें सोपूत घेवन वा दृढकथन करून स्वाक्षरी करतली.

[3][**220. स्थायी न्यायाधीश जाल्या उपरांत वेवसायाचेर निर्बंध.**—जिणें ह्या संविधानाच्या आरंभा उपरांत खंयच्याय उच्च न्यायालयाच्या स्थायी न्यायाधिशाचें पद धारण केलां अशे खंयचेच व्यक्तीक सर्वोच्च न्यायालय वा हेर उच्च न्यायालयां हांचे भायर भारतांतल्या खंयच्याय न्यायालयांत वा खंयच्याय प्राधिकरणा मुखार वकिली करूंक वा काम करूंक मेळचें ना.

*फोडणिशी.*—ह्या अनुच्छेदांतल्या "उच्च न्यायालय" ह्या शब्दप्रयोगांत संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956 हाच्या [4]आरंभा पयलीं अस्तित्वांत आशिल्ले पयले अनुसुचींतल्या भाग (ब) हातूंत विनिर्दिश्ट केल्ल्या राज्याच्या उच्च न्यायालयाचो आसपाव ना.]

**221. न्यायाधिशांचीं वेतनां, आदी.**—[5][(1) दर एक उच्च न्यायालयाच्या न्यायाधिशाक संसदेन कायद्या वरवीं निश्चित केल्लीं वेतनां दितले आनी ताचे संबंदीं तसो उपबंध करीसर दुसरे अनुसुचींत विनिर्दिश्ट केल्यांत तशीं वेतनां दितले.]

---

[1] संविधान (पंदरावो बदल) अधिनेम, 1963, कलम 4(ख) (पूर्वलक्षी प्रभावान) वरवीं निविश्ट केलें.

[2] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "खंयच्याय राज्यांत" हीं उतरां काडलीं.

[3] कित्तो- कलम 13 (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं घालें.

[4] 1 नोंव्हेंबर, 1956.

[5] संविधान (चवपनावो बदल) अधिनेम, 1986, कलम 3 (1-4-1986 हे तारखे सावन लागू) वरवीं पोटकलम (1) हे सुवातेर घालें.

(2) दर एक न्यायाधीश, संसदेन केल्ल्या कायद्या वरवीं वा ताचे खाला वेळावेळार निर्धारीत करतले तशे भत्ते आनी गैरहजेरी-रजा आनी पॅन्शन ह्या संबंदांतले अशे अधिकार हांकां आनी, हे प्रमाणें निर्धारीत जायसर दुसरे अनुसुचींत विनिर्दिश्ट केल्ले आसात अशे भत्ते आनी अधिकार हांकां हक्कदार आसतलो:

ताका शर्त अशी कीं, न्यायाधिशाचे भत्ते वा गैरहजेरी-रजा वा पॅन्शन हे संबंदांतले ताचे अधिकार हातूंतल्या कित्यांतूच ताका लुकसाणाचो जायत असलो बदल ताचे नेमणुके उपरांत करचे नात.

**222. न्यायाधिशाची एका उच्च न्यायालयांतल्यान दुसऱ्या उच्च न्यायालयांत बदली.**—(1) राष्ट्रपतीच्यान, खंयच्याय न्यायाधिशाची [1][अनुच्छेद 124क त सुचयिल्ल्या राष्ट्रीय न्यायीक नेमणूक आयोगाचे सुचोवणे वयल्यान], एका उच्च न्यायालयांतल्यान दुसऱ्या खंयच्याय उच्च न्यायालयांत [2]*** बदली करूं येता.

[3][(2) खंयच्याय न्यायाधिशाची हे प्रमाणें बदली जाल्ली आसत वा जातली ते संबंदांत, तो संविधान (पंदरावो बदल) अधिनेम, 1963 हाच्या आरंभा उपरांत जेन्ना दुसऱ्या उच्च न्यायालयाचो न्यायाधीश म्हूण सेवेंत आसतलो त्या कालावधींत तो आपल्या वेतना भायर आनी संसद कायद्या वरवीं निर्धारीत करतली असो भरपायकारी भत्तो आनी हे प्रमाणें निर्धारीत जायसर राष्ट्रपती आदेशा वरवीं निश्चीत करतलो असो भरपायकारी भत्तो मेळपाक हक्कदार आसतलो.]

**223. कार्यार्थ मुख्य न्यायमुर्तीची नेमणूक.**—जेन्ना उच्च न्यायालयाच्या मुख्य न्यायमुर्तीचें पद रितें आसतलें वा असो कोणूय मुख्य न्यायमुर्ती गैरहजेरेच्या कारणाक लागून वा हेर तरेन आपल्या पदांचीं कर्तव्या निभावंक पावचो ना तेन्ना, त्या पदांचीं कर्तव्यां त्या न्यायालयांच्या हेर न्यायाधिशां मदल्या ज्या एकाची राष्ट्रपती त्या प्रयोजना खातीर नेमणूक करतलो, तो न्यायाधीश निभायतलो.

[4][**224. अतिरिक्त आनी कार्यकारी न्यायाधिशांची नेमणूक.**—(1) जर उच्च न्यायालयाच्या कामकाजांत तत्पुरती वाड जाल्ल्या कारणाक लागून वा थंय फाटलें कामकाज थकीत उरिल्ल्या कारणाक

---

[1] संविधान (णव्याण्णवावो बदल) अधिनेम, 2014, कलम 7 (13-4-2015 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "भारताच्या मुखेल न्यायाधिशा कडेन सल्लो-मसलत करून" हे सुवातेर घालें. हो बदल सर्वोच्च न्यायालयान *आपल्या एडव्होकेट्स-ऑन-रॅकॉर्ड असोसिएशन आनी आनीक एकलो आड भारत सरकार,* तारीख 16-10-2015च्या निवाड्यांत भायर मारल्या. AIR 2016 SC 117.

[2] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 14 (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "भारताच्या राज्य क्षेत्रांतलें" हीं उतरां काडलीं.

[3] संविधान (पंदरावो बदल) अधिनेम, 1963, कलम 5 (5-10-1963 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें. संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 14 (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं मूळ पोटकलम (2) काडलें.

[4] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 15 (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 224 हे सुवातेर घालें.

लागून, कांय काळा पुरतो न्यायाधिशांचो आंकडो वाडोवचो अशें जर राष्ट्रपतीक दिसलें जाल्यार, [1][राष्ट्रपतीच्यान, राष्ट्रीय न्यायीक नेमणूक आयोगा कडेन सल्लो मसलत करून] न्यायालयाचे अतिरिक्त न्यायाधीश म्हूण, तो विनिर्देश करीत ते प्रमाणें, पात्र व्यक्तींक दोन वर्सां परस चड न्हय अशा काळा खातीर नेमपाची शिफारस करूं येता.

(2) जेन्ना उच्च न्यायालयाचो मुख्य न्यायमुर्ती सोडून हेर न्यायाधीशाचे गैरहाजिरेच्या कारणाक लागून वा हेर कसल्याय कारणांक लागून ताच्या पदाचें काम करूंक असमर्थ आसा वा ताका तत्पुरतो मुख्य न्यायमुर्ती म्हूण नियुक्त केल्यार, [1][राष्ट्रपतीच्यान, राष्ट्रीय न्यायीक नेमणूक आयोगा कडेन सल्लो मसलत करून] पयलींचो कायम न्यायाधीश आपलो ताबो घे मेरेन, योग्य आनी पात्र व्यक्तीक, काम चलोवंक नियुक्त करूं येता.

(3) उच्च न्यायालयाचो अतिरिक्त वा कार्यार्थ न्यायाधीश म्हूण नेमणूक जाल्ली खंयचीच व्यक्ती [2][बांसठ वर्सां] पिरायेची जाल्या उपरांत पद धारण करची ना.]

[3][**224क. उच्च न्यायालयांच्या बसकांनी निवृत्त न्यायाधिशांची नियुक्ती.**—ह्या अध्यायांत कितेंय आसलें तरी, खंयच्याय वेळार [4][राष्ट्रीय न्यायीक नेमणूक आयोग, राष्ट्रपतीचे पूर्व संमतीन, खंयच्याय राज्या खातीरच्या उच्च न्यायालयाच्या मुख्य न्यायमुर्तीन ताका केल्ले शिफारशीक लागून] खंयच्याय राज्याच्या उच्च न्यायालयाच्या मुखेल न्यायाधिशान, त्या न्यायालयाच्या वा हेर खंयच्याय उच्च न्यायालयाच्या न्यायाधिशाचें पद धारण केलां अशे कोणेय व्यक्तीक, त्या राज्याच्या उच्च न्यायालयाचो न्यायाधीश म्हूण सुवातेर बसोवन कार्य चलोवचे खातीर विनंती करूं येता, आनी हे प्रमाणें विनंती केल्ले अशे दर एक व्यक्तीक, राष्ट्रपती, आदेशा वरवीं निर्धारीत करतलो ते प्रमाणें तशा भत्यांक हकदार आसतली आनी तिका त्या उच्च न्यायालयाच्या कोणाय न्यायाधिशाची न्यायाधिकारताय, सगले अधिकार आनी विशेशाधिकार मेळटले, पूण हरशीं ताका त्या न्यायालयाचो न्यायाधीश अशें मानचे नात:

ताका शर्त अशी कीं, त्या उच्च न्यायालयाचो न्यायाधीश म्हूण ते सुवातेर बसून कार्य चलोवंक वयर सांगल्या ते भशेन खंयचेय व्यक्तीन संमती दिल्ली आसल्या बगर, ह्या अनुच्छेदांतले खंयचेय बाबीक लागून तिका तशें करप सक्तेचें जाता अशें मानचे नात.]

---

[1] संविधान (णव्याण्णवावो बदल) अधिनेम, 2014, कलम 8 (13-4-2015 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "राष्ट्रपतीच्यान नेमणूक करूं येता" हे सुवातेर घालें. हो बदल सर्वोच्च न्यायालयान *आपल्या एडव्होकेड्स-ऑन-रॅकॉर्ड असोसिएशन आनी आनीक एकलो आड भारत सरकार,* तारीख 16-10-2015च्या निवाड्यांत भायर मारला. AIR 2016 SC 117.

[2] संविधान (पंदरावो बदल) अधिनेम, 1963, कलम 6 (5-10-1963 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "साठ वर्सां" ह्या उतरांचे सुवातेर घालें.

[3] कित्तो- कलम 7 (5-10-1963 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[4] संविधान (णव्याण्णवावो बदल) अधिनेम, 2014, कलम 9 (13-4-2015 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "राष्ट्रपतीचे पूर्व मान्यतायेन खंयच्याय राज्या खातीरच्या उच्च न्यायालयाच्या मुखेल न्यायाधिशान" हे सुवातेर घालें. हो बदल सर्वोच्च न्यायालयान *सर्वोच्च न्यायालय एडव्होकेड्स-ऑन- रॅकॉर्ड असोसिएशन आनी आनीक एकलो आड भारत सरकार*, तारीख 16-10-2015च्या निवाड्यांत भायर मारला. AIR 2016 SC 117.

**225. विद्यमान उच्च न्यायालयांची न्यायाधिकारिताय.**—ह्या संविधानाच्या उपबंधांच्या आनी ह्या संविधाना वरवीं समुचीत विधीमंडळाक प्रदान केल्ल्या अधिकारांच्या आदारार त्या विधीमंडळान केल्ल्या कसल्याय कायद्यांच्या उपबंधांचे अधीनतायेन, खंयच्याय विद्यमान उच्च न्यायालयाची न्यायाधिकारिताय आनी तातूंत प्रशासीत जावपी कायदो, आनी न्यायालयाचे नेम करपाच्या आनी न्यायालयांच्या बसकांचें आनी एकेकल्यान वा खंडपिठाचेर बसून काम चलोवपी ताच्या वांगड्यांच्या बसकांचें विनेमन करपाच्या अधिकारां सयत त्या न्यायालयांतल्या न्यायदाना संबंदीं त्या न्यायालयाच्या न्यायाधिशांक दरेकीं आशिल्ले अधिकार ह्या संविधानाच्या आरंभाचे निकटपूर्व जशे आशिल्ले तशेच आसतले:

[1][ताका शर्त अशी कीं, म्हासुला कडेन संबंदीत आशिल्ले वा ताची वसुली करतना आदेशिल्ले वा केल्ले कसलेय कृती कडेन संबंदीत आशिल्ले कसलेय बाबी विशीं खंयच्याय उच्च न्यायालयान करपाच्या मूळ न्यायाधिकारितायेच्या वापराचेर ह्या संविधानाच्या आरंभाचे निकटपूर्व जो निर्बंध आशिल्लो असलो कसलोय निर्बंध अशे न्यायाधिकारितायेच्या वापराक हे फुडें लागू आसचो ना.]

[2][**226. विशिश्ट प्राधिलेख जारी करपाचो उच्च न्यायालयांचो अधिकार.**—(1) अनुच्छेद 32 हातूंत कितेंय आसलें तरी, [3]*** दर एक उच्च न्यायालयाक जांचे संबंदीं तें न्यायाधिकारिताय वापरता त्या राज्यक्षेत्रां मदीं सगले कडेन, त्या राज्यांतले कोणेय व्यक्तीक वा प्राधिकरणाक, तशेंच योग्य प्रकरणांत खंयच्याय सरकाराक लेखून [4][भाग III हातूंत प्रदान केल्ल्यातल्या कसल्याय अधिकाराची बजावणी करपा खातीर वा हेर कसल्याय प्रयोजना खातीर निदेश, आदेश वा *हेबियस कॉर्पस (देहोपस्थिती), मांदामुस (मदादेश)*, प्रोहिबिशन (प्रतिरोध), *को वारांटो (क्वाधिकार) आनी सर्शेओराराय (प्राकर्शण)* ह्या स्वरुपाच्या प्राधिलेखां सयत हेर प्राधिलेख वा तांचे भितरल्या खंयच्याय प्राधिलेखा सयत हेर प्राधिलेख वा तांचे भितरले खंयचेय प्राधिलेख जारी करपाचो अधिकार आसतलो.]

(2) खंयच्याय सरकाराक, प्राधिकरणाक वा व्यक्तीक लेखून निदेश, आदेश वा प्राधिलेख जारी करपाचो पोटकलम (1) वरवीं प्रदान केल्लो अधिकार, अशा अधिकाराच्या वापरा खातीर लागपी वादकारण पुरायेन वा अंशतायेन जंय उप्रासता त्या राज्यक्षेत्रांच्या संबंदांत न्यायाधिकारिताय वापरपी

---

[1] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 37 (1-2-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें आनी उपरांत संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 29 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[2] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 38 (1-2-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 226 हे सुवातेर घालें.

[3] संविधान (त्रेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1977, कलम 7 (13-4-1978 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "परंतू अनुच्छेद 131क आनी 226क च्या उपबंधांचे अधीनतायेन" हीं उतरां, आंकडे आनी अक्षरां कडलीं.

[4] संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 30 (1-8-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "जांचे खाला बंदी देहोपस्थिती, मदादेश, प्रतिरोध, क्वाधिकार – पृच्छा आनी प्राकर्शणाच्या तरांचे लेखूय आसात वा तांचे मदल्या खंयच्याय" ह्या उतरांनी सुरू जावन "न्यायाची सातत्यान निश्फळटाय जाल्या, कसल्याय लुकसाणाच्या प्रतितोशा खातीर" ह्या उतरांनी सोंपपी भागांचे सुवातेर घालें.

खंयच्याय उच्च न्यायालयांनीय वापरपा असली आसतली, मागीर अशें सरकार वा प्राधिकरण हांचें कार्यस्थान वा अशे व्यक्तीचें निवासस्थान त्या राज्यक्षेत्रां भितर नासलें तरीय हरकत ना.

[1][(3) ज्या खंयच्याय पक्षकारा आड पोटकलम (1) खालच्या विनंती अर्जाचेर ते संबंदांतले कसलेय कारवायेंत, अध्यादेशाच्या वा स्थगितेच्या रुपांत हेर कसलेय तरेचो अंतरीम आदेश काडिल्लो आसा आनी,—

(क) अशा पक्षकाराक अशा विनंती अर्जाच्यो वा अशा अंतरीम आदेशा विशींचे विनंतेक पुश्टीकारक आसपी सगल्या दस्तावेजांच्यो प्रती पावयिल्ल्यो नासतीत; आनी

(ख) अशा पक्षकाराक आपलें म्हणणें मांडपाची संद दिल्ली नासत,

त्या पक्षकारान असो आदेश रद्द जावचो म्हूण उच्च न्यायालया कडेन अर्ज केलो आनी अशा अर्जाची एक प्रत जाचे वटेन असो आदेश काडिल्लो आसत त्या पक्षकाराक वा अशा पक्षकाराच्या वकिलाक दिली जाल्यार ते संबंदांत, उच्च न्यायालयाक जे तारखेक अर्ज मेळत ती तारीख वा जे तारखेक अशा अर्जाची प्रत अशे रितीन दितलो ती तारीख हांचे मदली जी मागीरची आसतली ते तारखे सावन दोन सप्तकांच्या कालावधी भितर, वा त्या कालावधीच्या निमाण्या दिसा उच्च न्यायालय बंद आसत जाल्यार ताचे उपरांत जेन्ना उच्च न्यायालय चालू जातलें असो फुडलो दीस सोंपचे पयलीं तें उच्च न्यायालय त्या अर्जाचो निकाल करतलें; आनी जर अर्जाचो अशे रितीन निकाल लायलो ना जाल्यार, तो अंतरीम आदेश, तो कालावधी सोंपना बाराबर वा वयर दिला तो फुडलो दीस सोंपना फुडें रद्द जातलो.]

[2][(4) ह्या अनुच्छेदा खाला उच्च न्यायालयाक प्रदान केल्लो अधिकार हो अनुच्छेद 32च्या पोटकलम (2) वरवीं सर्वोच्च न्यायालयाक प्रदान केल्ल्या अधिकाराक उणेपण हाडपी आसचो ना.]

[3][**226क.** *अनुच्छेद 226चे अधीनतायेन केल्ल्या कारवायांनी केंद्रीय कायद्यांचे संविधानीक वैधतायेचेर विचार करिनासप.*].—*संविधान (त्रेचाळिसावो बदल) अधिनेम,* 1977, *कलम* 8 (13-4-1978 *हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें.*

**227. उच्च न्यायालयाचो सगल्या न्यायालयांचेर देखरेख करपाचो अधिकार.**—[4][(1) दर एक उच्च न्यायालय ज्या राज्य क्षेत्रांच्या संबंदांत अधिकारिताय वापरता त्या राज्य क्षेत्रांतल्या सगल्या न्यायालयांचेर आनी न्यायाधिकरणांचेर ताची देखरेख आसतली.]

---

[1] संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 30 (1-8-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं पोटकलम (3), (4), (5) आनी (6) हे सुवातेर घालें.

[2] संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 30 (1-8-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं पोटकलम (7) हाका पोटकलम (4) ह्या रुपांत फेरअंकीकृत केलें.

[3] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 39 (1-2-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[4] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 40 (1-2-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं पोटकलम (1) हे सुवातेर घालें आनी उपरांत संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 31 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं पोटकलम (1) हे सुवातेर घालें.

(2) पुर्वगामी उपबंधाचे व्यापकतायेक बाधा येय नासतना, उच्च न्यायालयाच्या—

(क) अश्या न्यायालयां कडल्यान प्रतिवेदना मागोवं येता;

(ख) अश्या न्यायालयांच्यो प्रथा आनी कार्यवाही विनेमीत करपा खातीर सर्वसादारण नेम करून वितरावं येतात आनी नमुने विहीत करूं येतात; आनी

(ग) अश्या खंयच्याय न्यायालयांच्या अधिकाऱ्यांनी नोंदपट्यो, नोंदी आनी हिशोब कसल्या नमुन्या प्रमाणें दवरूंक जाय तें विहीत करूं येता.

(3) उच्च न्यायालयाच्या शेरीफ आनी अश्या न्यायालयाचे सगले लिपीक आनी अधिकारी आनी अधिवक्तो, न्यायप्रतिनिधी आनी वकील हांकां दिवपाच्या मोबदल्याचीं कोश्टकां थारावं येत:

ताका शर्त अशी कीं, पोटकलम (2) वा पोटकलम (3) खाला केल्ले कसलेय नेम, विहीत केल्ले नमुने आनी थारायिल्लीं कोश्टकां त्या-त्या काळार लागू आशिल्ल्या खंयच्याय कायद्याच्या उपबंधा कडेन विसंगत आसचीं नात आनी तांकां राज्यपालाची पूर्व मान्यताय गरजेची आसतली.

(4) सशस्त्र दळां संबंदींच्या खंयच्याय कायद्या वरवीं वा त्या खाला घडयिल्ल्या खंयच्याय न्यायालयाचेर वा न्यायाधिकरणाचेर देखरेख करपाचे अधिकार ह्या अनुच्छेदा खालचे खंयचेय बाबीक लागून उच्च न्यायालयाक प्रदान जातात अशें मानचे नात.

[1](5) * * * *

**228. विशिश्ट प्रकरणांचें उच्च न्यायालया कडेन अंतरण.**—आपणाक दुय्यम आशिल्ल्या न्यायालयांत प्रलंबीत आशिल्लें कसलेंय प्रकरण निकालांत काडपा खातीर जाचो निर्णय जावप गरजेचो आसा असो खंयचोय ह्या संविधानाच्या अर्थ लावपा संबंदींचो सारभूत विधीप्रस्न त्या प्रकरणांत घुसपल्लो आसा अशी उच्च न्यायालयाची खात्री जाली जाल्यार, [2][तें न्यायालय, तें प्रकरण काडून घेतलें आनी [3]***—]

(क) एक तर स्वताच तें प्रकरण ताच्यान निकालांत काडूं येता, वा

(ख) उक्त विधीप्रस्न निर्धारीत करून, ज्या न्यायालयांतल्यान तें प्रकरण काडून घेतलां ताचे कडेन अशा प्रस्ना वयल्या आपणाल्या न्यायनिर्णयाचे एके प्रति सयत ताच्यान तें प्रकरण परतें धाडूं येता आनी ती प्रत मेळटकूच उक्त न्यायालय अशा न्यायनिर्णया प्रमाणें प्रकरण निकालांत काडपाची कारवाय करतलें.

---

[1] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 40 (1-2-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं पोटकलम (5) निविश्ट केलें आनी संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 31 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें.

[2] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 41 (1-2-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "तें प्रकरण फाटीं घेतले आनी—" हे सुवातेर घालें.

[3] संविधान (त्रेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1977, कलम 9 (13-4-1978 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "अनुच्छेद 131क च्या उपबंधांचे अधीनतायेन" हीं उतरां, आंकडे आनी अक्षर काडलीं.

[1][**228क.** *राज्य कायद्यांचे संविधानीक वैधताये संबंदींच्या प्रस्नांच्या निर्णयां विशीं विशेश उपबंध.*].—*संविधान (त्रेचाळिसावो बदल) अधिनेम,* 1977, *कलम* 10 (13-4-1978 *हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें.*

**229. अधिकारी आनी सेवक तशेंच उच्च न्यायालयांचे खर्च.**—(1) उच्च न्यायालयाचे अधिकारी आनी सेवक हांच्यो नेमणुको, त्या न्यायालयाचो मुख्य न्यायमुर्ती वा तो निर्देश करीत असो त्या न्यायालयाचो हेर कोणूय न्यायाधीश वा अधिकारी हांचे कडल्यान जातल्यो:

ताका शर्त अशी कीं, [2]*** राज्याच्या राज्यपालान नेमा वरवीं अशें गरजेचें करूं येता कीं त्या नेमांत विनिर्दिश्ट करतले अशा प्रकरणांत, त्या न्यायालया कडेन पयलीं सावन संलग्न नाशिल्ले कोणेय व्यक्तीक त्या न्यायालया कडेन संबंदीत आशिल्ल्या कसल्याय पदाचेर राज्य लोकसेवा आयोगाचो विचार घेतल्या बगर नियुक्त करची न्हय.

(2) राज्य विधीमंडळान केल्ल्या खंयच्याय कायद्याच्या उपबंधाचे अधीनतायेन, उच्च न्यायालयाचे अधिकारी आनी सेवक हांच्यो सेवा-अटी त्या न्यायालयाच्या मुख्य न्यायमुर्तीन वा ताणें त्या प्रयोजना पासत नेम करपा खातीर प्राधिकृत केल्ल्या त्या न्यायालयाच्या हेर कोणाय न्यायाधिशान वा अधिकाऱ्यान केल्ल्या नेमां वरवीं विहीत केल्ल्यो अश्यो आसतल्यो:

ताका शर्त अशी कीं, ह्या पोटकलमा खाला केल्ल्या नेमांक, जितले मेरेन ते वेतनां, भत्ते, रजा वा पॅन्शनां हांचे कडेन संबंदीत आसतीत तितले मेरेन, [2]*** राज्याच्या राज्यपालाची मान्यताय गरजेची आसतली.

(3) उच्च न्यायालयाचे अधिकारी आनी सेवक हांकां वा तांचे संबंदांत दिवपाचीं सगलीं वेतनां, भत्ते आनी पॅन्शनां हांचे सयत त्या न्यायालयाचो प्रशासकी खर्च राज्याच्या एकवटीत निधीचेर प्रभारीत करतले आनी त्या न्यायालयान घेतिल्ली कसलीय फी वा हेर दुडू त्या निधीचो भाग थारतलो.

[3][**230. उच्च न्यायालयांचे न्यायाधिकारितायेचो केंद्रशासीत प्रदेशांनी विस्तार.**—(1) संसदेन कायद्या वरवीं उच्च न्यायालयाची न्यायाधिकारिताय खंयच्याय केंद्रशासीत प्रदेशांत विस्तारीत करूं येता वा ताचे पासून उच्च न्यायालयाची न्यायाधिकारिताय वर्जीत करूं येता.

(2) खंयच्याय राज्याचें उच्च न्यायालय खंयच्याय केंद्रशासीत प्रदेशाच्या संबंदांत न्यायाधिकारिताय वापरता आसत ते संबंदांत,—

(क) ह्या संविधानांतले खंयचेच बाबीक लागून त्या राज्याच्या विधीमंडळाक ती न्यायाधिकारिताय वाडोवपाचो, निर्बंधीत करपाचो वा काडून उडोवपाचो अधिकार प्रदान जाता असो ताचो अर्थ लावचे नात; आनी

(ख) अनुच्छेद 227त आशिल्लो राज्यपाला विशींच्या संदर्भांतलो अर्थ, त्या राज्य

---

[1] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 42 (1-2-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[2] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "जातूंत त्या उच्च न्यायालयाचें मुखेल कार्यस्थान" हो मजकूर काडलो.

[3] कित्तो- कलम 16 (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 230, 231, आनी 232 हे सुवातेर घालें.

क्षेत्रांतल्या दुय्यम न्यायालयांचे कसलेय नेम, नमुने वा कोश्टकां हांच्या संबंदांत, राष्ट्रपतीचो निर्देश असो लायतले.

**231. दोन वा चड राज्यां खातीर एकाच उच्च न्यायालयाची स्थापना.**—(1) ह्या प्रकरणाच्या पुर्वगामी उपबंधांनी कितेंय आसलें तरी, संसदेन कायद्या वरवीं दोन वा चड राज्यां खातीर वा दोन वा चड राज्यां आनी खंयचोय केंद्रशासीत प्रदेश हांचे खातीर एक सामाईक उच्च न्यायालय स्थापन करूं येत.

(2) अशा खंयच्याय न्यायालयाच्या संबंदांत,—

[1](क) * * * * *

(ख) अनुच्छेद 227तल्या राज्यपाला संबंदींच्या निर्देशाचो अर्थ, दुय्यम न्यायालयांचे कसलेय नेम, नमुने वा कोश्टकां हांचे संबंदांत, तीं दुय्यम न्यायालयां ज्या राज्यांत आसतीत ताच्या राज्यपाला संबंदींचो उल्लेख असो लायतले; आनी

(ग) अनुच्छेद 219 आनी 229 हातूंतल्या राज्या संबंदींच्या उल्लेखांचो अर्थ, जंय उच्च न्यायालयाचें प्रमूख कार्यस्थान आसत त्या राज्या संबंदींचो उल्लेख असो लायतले:

ताका शर्त अशी कीं, अशें प्रमूख कार्यस्थान केंद्रशासीत प्रदेशांत आसत जाल्यार अनुच्छेद 219 आनी 229 हातूंतल्या राज्यपाल, राज्य लोकसेवा आयोग, राज्य विधीमंडळ आनी राज्याचो एकवटीत निधी हांचे विशींच्या निर्देशांचो अर्थ, अनुक्रमान राष्ट्रपती, संघ लोकसेवा आयोग, संसद आनी भारताचो एकवटीत निधी हे संबंदींचो उल्लेख असो लायतले.]

[**232. अर्थावणी.**—संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 16 (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 230, 231 आनी 232चे सुवातेर अनुच्छेद 230 आनी 231 अशें घालें].

## प्रकरण VI.—दुय्यम न्यायालयां

**233. जिल्लो न्यायाधिशांची नेमणूक.**—(1) खंयच्याय राज्यांतल्या जिल्लो न्यायाधिशांच्या पदांचेर करपाची व्यक्तींची नेमणूक आनी जिल्लो न्यायाधिशांचें पदस्थान आनी बडटी ह्यो बाबी त्या

---

[1] संविधान (णव्याण्णवावो बदल) अधिनेम, 2014, कलम 10 (13-4-2015 हे तारखे सावन लागू) वरवीं उप-पोटकलम (क) काडलें. हो बदल सर्वोच्च न्यायालयान *सर्वोच्च न्यायालय एडव्होकेट्स-ऑन-रॅकॉर्ड असोसिएशन आनी आनीक एकलो आड भारत सरकार तारीख* 16-10-2015च्या *निवाड्यांत भायर मारला.* AIR 2016 SC 117. बदला पयली, उप-पोटकलम (क) अशें आशिल्लें:—

"(क) अनुच्छेद 217त राज्याच्या राज्यपालांचो उल्लेख हो जांच्या संदर्भांत उच्च न्यायालयाक न्यायाधिकारिताय आसा त्या सगल्या राज्यांच्या राज्यपालांक लेखून अशें मानतले".

राज्याचो राज्यपाल अश्या राज्याच्या संबंदांत न्यायाधिकारिताय वापरपी उच्च न्यायालयाचो विचार घेवन करतलो.

(2) संघराज्याचे वा राज्याचे सेवेंत पयलीं सावन नाशिल्ली व्यक्ती जर उणींच तीं सात वर्सां इतलो काळ अधिवक्तो वा वकील आसत आनी उच्च न्यायालयान नेमणुके खातीर तिची शिफारस केल्या आसत जाल्यारूच, ती जिल्लो न्यायाधीश म्हूण नेमणूक जावपाक पात्र आसतली.

[1][**233क. कांय जिल्लो न्यायाधिशांच्यो नियुक्त्यो आनी तांणी दिल्ले न्यायनिर्णय, आदी कायदेशीर करपाची प्रक्रिया.**—खंयच्याय न्यायालयाचो कसलोय न्यायनिर्णय, हुकूमनामो वा आदेश कितेंय आसलो तरी,—

(क) (i) पयलीं सावन राज्याचे न्यायीक सेवेंत आशिल्ले खंयचेय व्यक्तीची वा जी व्यक्ती उण्यांत उणीं सात वर्सां इतलो काळ अधिवक्तो जावं वकील म्हूण आसा अशे खंयचेय व्यक्तीची त्या राज्याच्या जिल्लो न्यायालयाचो न्यायाधीश म्हूण केल्ली खंयचीय नियुक्ती, आनी—

(ii) अशे खंयचेय व्यक्तीचें जिल्लो न्यायाधीश म्हूण खंयचेंय पदस्थापन, बडटी वा बदली, फकत वयल्या उपबंधां प्रमाणें केल्ली नाशिल्ली हेच वस्तुस्थितीच्या कारणाक लागून संविधान (विसावो बदल) अधिनेम, 1966, हाच्या आरंभा पयलीं खंयच्याय वेळार, अनुच्छेद 233 वा अनुच्छेद 235 हांच्या उपबंधांचें अनुसरण करिनासतना, हरशीं केल्ली आसत जाल्यार अशी नियुक्ती, पदस्थापन, बडटी वा बदली बेकायदेशीर वा शून्य आसा वा केन्ना तरी बेकायदेशीर वा शून्य आशिल्ली अशें मानचे नात;

(ख) अनुच्छेद 233 वा अनुच्छेद 235 हांच्या उपबंधां प्रमाणें न्हय, तर हेर तरेन खंयच्याय राज्यांतलो जिल्लो न्यायाधीश म्हूण नेमणूक, पदस्थापन वा बडटी जाल्ले खंयचेय व्यक्तीन संविधान (विसावो बदल) अधिनेम, 1966 हाच्या आरंभा पयलीं वापरिल्ली कसलीय न्यायाधिकारिताय, दिल्लो वा केल्लो कसलोय न्यायनिर्णय, हुकूमनामो, शिक्षादेश वा आदेश आनी तिणें वा तिचे मुखार केल्ली हेर कसलीय कृती वा कारवाय ही अशी नेमणूक, पदस्थापन, बडटी वा बदली फकत वयल्या उपबंधां प्रमाणें करूंक नाशिल्ली हेच वस्तुस्थितीच्या कारणाक लागून बेकायदेशीर वा कायद्या भायली आशिल्ली अशें मानचे नात.]

**234. जिल्लो न्यायाधिशां परस वेगळ्या व्यक्तींची न्यायीक सेवेंतली नेमणूक.**—जिल्लो न्यायाधिशां परस वेगळ्या व्यक्तींची राज्याचे न्यायीक सेवेंतली नेमणूक, राज्याचो राज्यपाल, राज्य लोकसेवा आयोग आनी अश्या राज्याच्या संबंदांत न्यायाधिकारिताय वापरपी उच्च न्यायालय हांचो विचार घेवन ते संबंदांत ताणें स्वता केल्ल्या नेमां प्रमाणें करतलो.

[1] संविधान (विसावो बदल) अधिनेम, 1966, कलम 2 (22-12-1966 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

**235. दुय्यम न्यायालयां वयलें नियंत्रण.**—जिल्लो न्यायालयां आनी तांकां दुय्यम आसपी न्यायालयां हांचे वयलो नियंत्रणाधिकार उच्च न्यायालयाचे ठांय विहीत आसतलो, राज्याचे न्यायीक सेवेंत आशिल्ल्या आनी जिल्लो न्यायाधिशांच्या पदा परस कनिश्ठ पद धारण करपी व्यक्तींचें पदस्थापन आनी बडटी आनी तांकां रजा-मंजुरी ह्योय बाबी तातूंत आसपावीत आसतल्यो, पूण, ह्या कलमांतले खंयचेय बाबीक लागून, अशे खंयचेच व्यक्तीक तिच्या सेवा-अटींचें विनेमन करपी कायद्या प्रमाणें आसत असो कसलोच अपिलाधिकार तिचे पसून काडून घेतला अशें वा अशा कायद्या खाला विहीत केल्ल्या तिच्या सेवा-अटींचें अनुसरण करिनासतना हेर तरेन तिचे संबंदीं कितेंय करपाक ताका लागून उच्च न्यायालय प्राधिकृत जाता, असो ताचो अर्थ लावचे नात.

**236. अर्थावणी.**—ह्या प्रकरणांत—

(क) "जिल्लो न्यायाधीश" ह्या शब्दप्रयोगांत, नगर नागरी न्यायालयाचो न्यायाधीश, अपर जिल्लो न्यायाधीश, सह-जिल्लो न्यायाधीश, सहाय्यक जिल्लो न्यायाधीश, लघुवाद न्यायालयाचो मुख्य न्यायाधीश, मुख्य इलाको शार दंडाधिकारी, सत्र न्यायाधीश, अपर सत्र न्यायाधीश आनी सहाय्यक सत्र न्यायाधीश हांचो आसपाव आसा;

(ख) "न्यायीक सेवा" ह्या शब्दप्रयोगांचो अर्थ, जिल्लो न्यायाधिशाचें पद आनी जिल्लो न्यायाधिशाच्या पदा परस कनिश्ठ अश्या हेर दिवाणी न्यायीक पदां भरपा खातीर येवजिल्ल्या व्यक्तींची मेळ्ळूनूच फकत जाल्ली अशी सेवा असो अर्थ आसा.

**237. दंडाधिकाऱ्यांच्या विशिश्ट वर्गाक वा वर्गांक ह्या अध्यायाचे उपबंध लागू आसप.**—राज्यपालान जाहीर अधिसुचोवणे वरवीं अशें निर्देशीत करूं येता कीं, ह्या अध्यायाचे पुर्वगामी उपबंध आनी तांचे खाला केल्ले कसलेय नेम राज्याचे न्यायीक सेवेंत नेमणूक केल्ल्या व्यक्तींच्या संबंदांत जशे लागू जातात, तशेच ते अधिसुचोवणेंत विनिर्दिश्ट करतले अशा आडवादां सयत आनी आपरिवर्तनां सयत, राज्यांतल्या दंडाधिकाऱ्यांच्या खंयच्याय वर्गाक वा वर्गांक ते संबंदीं राज्यपाल निश्चीत करतलो अशे तारखेच्यान लागू जातल्यो.

# *भाग VII

[*पयले अनुसुचीच्या भाग (ख) हातूंतली राज्यां.*].

* संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें.

# भाग VIII

## [1][केंद्रशासीत प्रदेश]

[2][**239. केंद्रशासीत प्रदेश प्रशासन.**—(1) संसदेन कायद्या वरवीं हेर तरेन उपबंधीत केल्लें आसत तितलें सोडून हरशीं, राष्ट्रपती, आपणाक योग्य दिसत अशे मर्यादे मेरेन, तो स्वता निर्दिश्ट करतलो अशा पदनामा सयत ताणें नेमणूक करपाच्या प्रशासका वरवीं दर एका केंद्रशासीत प्रदेशाचें प्रशासन करतलो.

(2) भाग VI हातूंत कितेंय आसलें तरी, राष्ट्रपतीन खंयच्याय शेजारच्या केंद्रशासीत प्रदेशाचो प्रशासक म्हूण राज्यपालाची नेमणूक करूं येत, आनी राज्यपाल हे प्रमाणें नियुक्त जाला आसत ते संबंदीं, तो असो प्रशासक म्हूण आपल्या मंत्रीमंडळा बगर स्वतंत्रपणान आपलीं कार्यां निभायतलो.]

[3]*[**239क. विशिश्ट केंद्रशासीत प्रदेशां खातीर थळाव्या विधीमंडळांची वा मंत्रीमंडळाची वा दोनांयची निर्मिती.**—(1) संसदेच्यान कायद्या वरवीं [4][केंद्रशासीत प्रदेशां खातीर [5][पुदुच्चेरी]]—

(क) त्या केंद्रशासीत प्रदेशाचें विधीमंडळ म्हूण कार्य करपा खातीर कसलोय निकाय (संस्था), मागीर तो वेंचून दिवपाचो आसूं वा अंशतायेन नामनिर्देशीत करपाचो वा अंशतायेन वेंचून दिवपाचो आसूं, वा

(ख) खंयचेंय मंत्रीमंडळ,

वा दोनूय घडोवं येतात आनी दर एका संबंदांत, कायद्यांत विनिर्दिश्ट करूं येत अशी तांची घडण, अधिकार आनी कार्यां आसतलीं.

(2) पोटकलम (1) हातूंत उल्लेखीत अशा खंयच्याय कायद्यांत, ह्या संविधानाचो जो बदल करता वा जाचो ह्या संविधानांत बदल म्हूण असो कसलोय उपबंध करपी परिणाम जायत आसलो तरीय, तो कायदो अनुच्छेद 368च्या प्रयोजना खातीर ह्या संविधानाचो बदल आसा अशें मानचे नात.]

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम 1956, कलम 17 (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पयले अनुसुचीचो भाग (ग) हातूंतलीं राज्यां" हे सुवातेर घालें.

[2] कित्तो- कलम 17 (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 239 हे सुवातेर घालें.

[3] संविधान (चवदावो बदल) अधिनेम, 1962, कलम 4 (28-12-1962 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[4] गोंय, दमण आनी दीव फेररचणूक अधिनेम, 1987 (1987चो 18वो), कलम 63 (30-5-1987 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "गोंय, दमण आनी दीव आनी पुदुच्चेरी हांचे मदल्या खंयच्याय केंद्रशासीत प्रदेशाचे" हे सुवातेर घालें.

[5] पुदुच्चेरी (नांवांत फेरबदल) अधिनेम, 2006 (2006चो 44वो), कलम 4 (1-10-2006 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पुदुच्चेरी" हे सुवातेर घालें.

* जम्मू आनी काश्मीर फेररचणूक अधिनेम, 2019 (2019चो 34वो), कलम 13 (31-10-2019 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 239क जम्मू आनी काश्मीर केंद्रशासीत प्रदेशाक लागू केलें.

[1][**239कक. दिल्लीच्या संबंदांत खाशेले उपबंध.**—(1) संविधान (एकोणसत्तरावो बदल) अधिनेम, 1991चे सुरवाती सावन दिल्ली केंद्रशासीत प्रदेशाक राष्ट्रीय राजधानी राज्यक्षेत्र (जाका ह्या भागांत हे फुडें राष्ट्रीय राजधानी राज्यक्षेत्र म्हणलां) अशें म्हणटले आनी 239व्या अनुच्छेदा खाला नेमिल्ल्या ताच्या प्रशासकाचें पदाभिधान उप-राज्यपाल अशें आसतलें.

(2)(क) राष्ट्रीय राजधानी राज्यक्षेत्रा खातीर एक विधानसभा आसतली आनी अशे विधानसभेंतल्यान सुवातो राष्ट्रीय राजधानी राज्यक्षेत्रांतल्या मतदारसंघांतल्यान प्रत्यक्ष वेंचणुके वरवीं वेंचून आयिल्ल्या वांगड्यां कडल्यान भरतले.

(ख) विधानसभेंतल्या वांगड्यांची वट्ट संख्या अनुसुचीत जातीं खातीर सुवातांची संख्या, राष्ट्रीय राजधानी राज्यक्षेत्राचें प्रादेशीक मतदारसंघांनी विभाजन (जातूंत अश्या विभाजनाचो आदार आसा) तशेंच विधानसभेच्या कार्यकरणा कडेन संबंदीत अश्या सगल्या बाबींचें विनेमन, संसदेन केल्ल्या कायद्या वरवीं जातलें.

[2][(खक) दिल्ली राष्ट्रीय राजधानी राज्यक्षेत्राचे विधानसभेंत, बायलां खातीर सुवातो आरक्षीत दवरतले.

(खख) दिल्ली राष्ट्रीय राजधानी राज्यक्षेत्राचे विधानसभेंत अनुसुचीत जातीं खातीर आरक्षीत आशिल्ल्या सुवातांतल्यो एक-तृतियांशाक जायत तितल्यो लागीं इतल्यो सुवातो बायलां खातीर आरक्षीत दवरतले.

(खग) दिल्ली राष्ट्रीय राजधानी राज्यक्षेत्राचे विधानसभेंत थेट वेंचणुके वरवीं भरपाच्या सुवातांच्या वट्ट संख्येंतल्यो (अनुसुचीत जातींतल्या बायलां खातीर आरक्षीत आशिल्ल्या सुवातांचे संख्ये सयत), जमत तितल्यो, एक-तृतियांशाक जायत तितल्यो लागीं इतल्यो सुवातो, संसद, कायद्या वरवीं निर्धारीत करतली अशे रितीन बायलां खातीर आरक्षीत करतले.]

(ग) अनुच्छेद 324 ते अनुच्छेद 327 आनी अनुच्छेद 329चो उपबंध राष्ट्रीय राजधानी राज्यक्षेत्र, राष्ट्रीय राजधानी राज्यक्षेत्राची विधानसभा आनी तिच्या वांगड्यांच्या संबंदांत तेच तरेन लागू जातले जशे ते खंयचेंय राज्य, खंयच्याय राज्याची विधानसभा आनी तिच्या वांगड्यांच्या संबंदांत लागू जातात तशेंच अनुच्छेद 326 आनी 329 हातूंत "समुचीत विधीमंडळ" हाचे कडेन उल्लेखीत संबंदांत अशें धरतले कीं तो उल्लेख संसदेक लेखून आसा.

---

[1] संविधान (एकोणसत्तरावो बदल) अधिनेम, 1991, कलम 2 (1-2-1992 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 239कक आनी 239कख निविश्ट केलें.

[2] संविधान (एकशें सवो बदल) अधिनेम, 2023, कलम 2 (तारीख अधिसुचीत जावंक ना) वरवीं निविश्ट केलें.

(3)(क) ह्या संविधानाच्या उपबंधांचे अधीन रावन, विधानसभेक राज्य वळेरेची नोंद 1, 2 आनी 18 सावन तशेंच ते वळेरेची नोंद 64, 65 आनी 66 सावन, जितले मेरेन ताचो संबंद वयर सांगिल्ल्या नोंद 1, नोंद 2 आनी नोंद 18 हांचे कडेन आसत, थंय संबंदीत विशयां परस वेगळे राज्य वळेरेंत वा समवर्ती वळेरेंत आसपावीत खंयच्याय विशयाच्या संबंदांत, जितले मेरेन असलो खंयचोय विशय केंद्रशासीत प्रदेशांक लागून जाता तेन्ना पुराय राष्ट्रीय राजधानी राज्यक्षेत्रा खातीर वा ताच्या खंयच्याय भागा खातीर कायदो करपाचो अधिकार आसतलो.

(ख) उप-पोटकलम (क) हातूंतली खंयचीय बाब, केंद्रशासीत प्रदेश वा ताच्या खंयच्याय भागा खातीर, खंयच्याय विशयांत ह्या संविधानाचे अधीन रावन कायदो करपाच्या संसदेच्या अधिकाराचें अल्पीकरण करची ना.

(ग) जर विधानसभेन खंयच्याय विशयाच्या संबंदांत केल्ल्या कायद्याचो संबंद, संसदेन त्या विशयांत केल्ल्या खंयच्याय कायद्या कडेन येता आसत, मागीर तो विधानसभेन पास केल्ल्या कायद्याचे पयलीं वा मागीर पास केल्लो आसूं, वा खंयच्याय पुर्ववत कायद्याच्या संबंदांत संसदेचो कायदो विधानसभेच्या कायद्या परस वेगळो आसत, आनी संसदेच्या कायद्याक प्रतिकूल आसत, मागीर तो पयलीं पास केल्लो आसूं वा मागीर, अश्या दोनूय स्थितींनी, संसदेन केल्लो कायदो वा असलो खंयचोय पुर्ववत कायदो प्रभावी थारतलो आनी विधानसभेन केल्लो कायदो त्या कायद्याचे प्रतिकूलतायेच्या संबंदा मेरेन शून्य जातलो:

ताका शर्त अशी कीं, विधानसभे वरवीं केल्लो असलो खंयचोय कायदो राष्ट्रपतीचे मान्यताये खातीर जर आरक्षीत केल्लो आसत आनी ताका राष्ट्रपतीची मान्यताय मेळ्ळ्या आसत जाल्यार, असलो कायदो राष्ट्रीय राजधानी राज्याक्षेत्रांत प्रभावी थारतलो:

ताका आनीक शर्त अशी कीं, ह्या उप-पोटकलमांतली खंयचीय बाब, त्याच विशयाच्या संबंदांत खंयचोय कायदो, जाचे अंतर्गत असो कायदो आसा जो विधानसभे वरवीं अशे तरेन केल्ल्या कायद्याचेंच पुश्टीकरण, बदल, परिवर्तन वा निरसन करता, जाल्यार खंयच्याय वेळार अधिनेमीत करपा पासून संसदेक परावृत्त करची ना.

(4) ज्या बाबींनी खंयच्याय कायद्या वरवीं वा ताचे अधीनतायेन उप-राज्यपाला कडल्यान अशें अपेक्षीत आसा कीं ताणें आपल्या विवेका नुसार कार्य करचें, त्यो बाबी सोडून उप-राज्यपालाक, त्या विशयांच्या संबंदांत जांचे बाबतींत विधानसभेक कायदो करपाचो अधिकार आसा, ताच्या कृत्यांचो प्रयोग करपांत पालन आनी सल्लो दिवपा खातीर एक मंत्रीमंडळ आसतलें, जें विधान सभेचे वट्ट वांगडी संख्येचे धा प्रतिशें संख्ये परस चड न्हय इतल्या वांगड्यांचें मेळून जातलें जाचो प्रमूख, मुख्यमंत्री आसतलो:

ताका शर्त अशी कीं, उप-राज्यपाल आनी ताचे मंत्री हांचे मदीं खंयच्याय विशया संबंदीं मतभेद उप्रासलो जाल्यार उप-राज्यपाल तो विशय सुटावो करपा खातीर राष्ट्रपतीन ताचेर दिल्ल्या निर्णया प्रमाणें कार्य करतलो तशेंच असो निर्णय जाय मेरेन उप-राज्यपाल खंयचेय असले बाबींत, जंय तो विशय, ताच्या मतान इतलो गरजेचो आसा जाका लागून ताकतिकेन कारवाय करप ताचे खातीर सामकें गरजेचें आसा थंय, त्या विशयांत अशी कारवाय करपा खातीर वा असो निदेश दिवपा खातीर, तो गरजेचें अशें धरीत, तेन्ना सक्षम आसतलो.

(5) मुख्यमंत्र्याची नेमणूक राष्ट्रपती करतलो आनी हेर मंत्र्यांची नेमणूक राष्ट्रपती, मुख्यमंत्र्याच्या सल्ल्या वयल्यान करतलो, तशेंच मंत्री राष्ट्रपतीची मर्जी आससर आपणालीं पदां धारण करतले.

(6) मंत्रीमंडळ विधानसभेक सामुहीक रितीन जापसालदार आसतलें.

[1][(7)(क)] संसद, पुर्वगामी पोटकलमांक प्रभावी करपा खातीर, वा तातूंत आसपावीत उपबंधांचे पुर्तताये खातीर आनी तांच्या अनुशंगीक आनी परिणामी अशा सगल्या विशयां खातीर, कायद्यां वरवीं, उपबंध करूंक पावतली.

[2][(ख) उप-पोटकलम (क) हातूंत निर्दिश्ट कायद्याक, अनुच्छेद 368च्या प्रयोजना खातीर, ह्या संविधानाचो बदल तातूंत कसलोय असो उपबंध आसपावीत आसा जो ह्या संविधानांत बदल करता, वा बदल केल्ल्याचो प्रभाव दवरता इतल्याच कारणा वयल्यान तो बदल जाला अशें मानचे नात.]

(8) अनुच्छेद 239ख चो उपबंध, जावं येता तितले मेरेन, राष्ट्रीय राजधानी राज्यक्षेत्र, उप-राज्यपाल आनी विधानसभेच्या संबंदांत तशेच लागू जाल्ले जशे ते [3][पुदुच्चेरी] केंद्रशासीत प्रदेश प्रशासक आनी ताचें विधीमंडळ हांच्या संबंदांत लागू जातात आनी त्या अनुच्छेदांत "अनुच्छेद 239क चें पोटकलम (1)" हाचे कडल्या निर्देशा विशीं अशें मानतले कीं तो, हो अनुच्छेद वा अनुच्छेद 239कख, जशें आसत तशें हाचे कडेन निर्देश आसा.

**239कख. संविधानीक वेवस्था निकामी जावपाचे स्थिती वेळार उपबंध.**—जर राष्ट्रपतीचें, उप-राज्यपालाचो अहवाल मेळ्ळ्या उपरांत वा हेर तरेन अशें समाधान जायत कीं—

(क) अशी स्थिती उप्रासल्या, जातूंत राष्ट्रीय राजधानी राज्यक्षेत्राचें प्रशासन अनुच्छेद 239कक वा त्या अनुच्छेदाक अनुसरून केल्ल्या खंयच्याय कायद्याच्या उपबंधां प्रमाणें चलोवप जमचें ना; वा

(ख) राष्ट्रीय राजधानी राज्यक्षेत्राच्या समुचीत प्रशासनान अशें करप योग्य वा गरजेचें आसा,

जाल्यार राष्ट्रपतीच्यान, आदेशा वरवीं, अनुच्छेद 239कक च्या खंयच्याय उपबंधाच्या वा त्या अनुच्छेदाक अनुसरून केल्ल्या खंयच्याय कायद्याच्या सगल्या वा अमुकूच अशा उपबंधांचें लागू आसप अमूक अशा काळा खातीर आनी अश्या अटींचे अधीन रावन ज्यो अशा कायद्यांत विनिर्दिश्ट करतले, निलंबीत करूं येता, तशेंच अशे अनुशंगीक आनी परिणामी उपबंध करूंक पावतलो, जे अनुच्छेद 239

---

[1] संविधान (सत्तरावो बदल) अधिनेम, 1992, कलम 3 (21-12-1991 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "(7)" हे सुवातेर घालें.

[2] कित्तो- कलम 3 (21-12-1991 हे तारखे सावन) वरवीं निविश्ट केलें.

[3] पुदुच्चेरी (नांवांत फेरबदल) अधिनेम, 2006 (2006चो 44वो), कलम 4 (1-10-2006 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पुदुच्चेरी" हे सुवातेर घालें.

आनी अनुच्छेद 239कक हांच्या उपबंधा प्रमाणें राष्ट्रीय राजधानी राज्यक्षेत्राच्या प्रशासना खातीर ताका आवश्यक वा योग्य दिसतीत.]

[1][**239ख. प्रशासकाचो विधीमंडळाच्या विरामकाळांत अध्यादेश प्रख्यापीत करपाचो अधिकार.**—(1) हातूंत निर्दिश्ट केल्ल्या [2][[3][पुदुच्चेरी] केंद्रशासीत प्रदेशाचें] विधीमंडळ विरामकाळांत आसत तेन्नाची बाब सोडल्यार खंयच्याय वेळार, त्या प्रशासकान तत्काळ कारवाय करप गरजेचें जावचें अशी सद्य परिस्थिती आसा अशी त्या प्रशासकाची खात्री जाली जाल्यार ताच्यान ते परिस्थितीक लागून गरजेचे दिसतात अशे अध्यादेश घोशीत करूं येतातः

ताका शर्त अशी कीं, असलो कसलोच अध्यादेश, प्रशासकान राष्ट्रपती कडल्यान त्या संबंदांत अनुदेश मेळयले बगर ताका प्रख्यापीत करूंक मेळचो ना:

ताका आनीक शर्त अशी कीं, जेन्ना-जेन्ना वयर उल्लेखिल्लें विधीमंडळ बरखास्त जाल्लें आसतलें वा ताचें कार्य अनुच्छेद 239क, पोटकलम (1) हातूंत निर्दिश्ट केल्ल्या अशा खंयच्याय कायद्या खाला केल्ले कसलेय कारवायेक लागून स्थगीत जाल्लें आसतलें तेन्ना तेन्ना, प्रशासक अशे बरखास्तेच्या वा स्थगितीच्या कालावधींत कसलोच अध्यादेश प्रख्यापीत करचो ना.

(2) राष्ट्रपतीच्या अनुदेशां प्रमाणें ह्या अनुच्छेदा खाला प्रख्यापीत केल्लो अध्यादेश हो अनुच्छेद 239क, पोटकलम (1) हातूंत निर्दिश्ट केल्ल्या अशा खंयच्याच कायद्यांत त्या संबंदींत आसपावीत आशिल्ल्या उपबंधाचें अनुपालन करून जो रितसर अधिनेमीत केला असो केंद्रशासीत प्रदेशांच्या विधीमंडळाचो अधिनेम आसा अशें मानतले, ताका शर्त अशी कीं असो दर एक अध्यादेश—

(क) केंद्रशासीत प्रदेशाच्या विधीमंडळा मुखार दवरतले आनी विधीमंडळाचें सत्र परतून भरल्या उपरांत स सप्तकां सोंपना फुडें, वा तो कालावधी सोंपचे पयलीं तो अध्यादेश अमान्य करपी थाराव विधीमंडळान पास केल्यार तो थाराव पास जायना फुडें तो अध्यादेश लागू आसपाचें बंद जातलें; आनी

(ख) हे संबंदांत राष्ट्रपती कडल्यान अनुदेश मेळयल्या उपरांत प्रशासकान खंयच्याय वेळार तो फाटीं घेवं येता.

(3) अनुच्छेद 239क च्या पोटकलम (1) हातूंत निर्दिश्ट केल्ल्या अशा खंयच्याय कायद्यांत ते संबंदीं आसपावीत आशिल्ल्या उपबंधाचें अनुपालन करून केल्लो केंद्रशासीत प्रदेशांच्या विधीमंडळाच्या

---

[1] संविधान (सत्ताविसावो बदल) अधिनेम, 1971, कलम 3 (30-12-1971 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[2] गोंय, दमण आनी दीव फेररचणूक अधिनेम, 1987 (1987चो 18वो), कलम 63 (30-5-1987 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "अनुच्छेद 239क च्या पोटकलम (1) संदर्भांत केंद्रशासीत प्रदेश" हे सुवातेर घालें.

[3] पुदुच्चेरी (नांवांत फेरबदल) अधिनेम, 2006 (2006चो 44वो), कलम 4 (1-10-2006 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पुदुच्चेरी" ह्या सुवातेर घालें.

अधिनेमांत आसपावीत केल्यार जो कायदेशीर जावचो ना असो कसलोय उपबंध ह्या अनुच्छेदा खालच्या अध्यादेशांत केल्लो आसत जाल्यार आनी तितले मेरेन, तो अध्यादेश शून्य आसतलो.]

[1](4) * * * *

[2][**240. राष्ट्रपतीचो विशिश्ट केंद्रशासीत प्रदेशां खातीर विनेमन करपाचो अधिकार.**—(1) राष्ट्रपतीन सकयल्या केंद्रशासीत प्रदेशांनी शांतताय आसची आनी तांची उदरगत जावची आनी तांचें शासन सुरळीत जावचें हे खातीर विनेमन करूं येता—

(क) अंदमान आनी निकोबार जुंवे;

[3][(ख) लक्षद्वीप;]

[4][(ग) दादरा आनी नगर हवेली, दमण आनी दीव;]

[5][(घ) ****;]

[6][(ङ) [7][पुदुच्चेरी];]

[8](च) * * *

[9](छ) * * *

[10][ताका शर्त अशी कीं, जेन्ना अनुच्छेद 239क खाला, [7][पुदुच्चेरी] ह्या केंद्रशासीत प्रदेशा खातीर विधीमंडळ म्हूण कार्य करपा खातीर कसलोय निकाय (संस्था) निर्मितले तेन्ना, राष्ट्रपती, त्या केंद्रशासीत प्रदेशांत शांतताय उरची आनी ताची उदरगत जावची आनी ताचें शासन सुरळीत जावचें हे खातीर विधीमंडळाचे पयले सभे खातीर, थारायिल्ले तारखेक आनी तेन्नाच्यान परिणामक जावपी असो कसलोच विनेम करचो ना:]

---

[1] संविधान (आठ्ठिसावो बदल) अधिनेम, 1975, कलम 4 (पूर्वलक्षी प्रभावान) वरवीं पोटकलम (4) निविश्ट केलें आनी संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 32 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें.

[2] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 17 (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 240 हे सुवातेर घालें.

[3] लखदीव, मिनिकोय आनी अमिनदिवी जुंवे (नांवांत फेरबदल) अधिनेम, 1973 (1973चो 34वो), कलम 4 (1-11-1973 हे तारखे सावन लागू) वरवीं (ख) ह्या नोंदीचे सुवातेर घालें.

[4] दादरा आनी नगर हवेली तशेंच दमण आनी दीव (केंद्रशासीत प्रदेशांचें विलिनीकरण) अधिनेम, 2019 (2019चो 44वो), कलम 4(i) (26-1-2020 हे तारखे सावन लागू) वरवीं घालें आनी संविधान (धावो बदल) अधिनेम, 1961, कलम 3 (11-8-1961 हे तारखे सावन लागू) वरवीं नोंद (ग) निविश्ट केलें.

[5] दादरा आनी नगर हवेली तशेंच दमण आनी दीव (केंद्रशासीत प्रदेशांचे विलिनीकरण) अधिनेम, 2019 (2019चो 44वो) कलम 4(ii) (26-1-2020 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें.

[6] संविधान (चवदावो बदल) अधिनेम, 1962, कलम 5 (16-8-1962 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[7] पुदुच्चेरी (नांवांत फेरबदल) अधिनेम, 2006 (2006चो 44 वो), कलम 4 (1-10-2006 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पुदुच्चेरी" हे सुवातेर घालें.

[8] मिझोराम राज्य अधिनेम, 1986 (1986चो 34वो), कलम 39 (20-2-1987 हे तारखे सावन लागू) वरवीं मिझोराम संबंदीं नोंद (च) काडली.

[9] अरुणाचल प्रदेश राज्य अधिनेम, 1986 (1986चो 69वो), कलम 42 (20-2-1987 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अरुणाचल प्रदेश संबंदीत नोंद (छ) काडली.

[10] संविधान (चवदावो बदल) अधिनेम, 1962, कलम 5 (28-12-1962 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[1][ताका आनीक शर्त अशी कीं, जेन्ना केन्ना तरी गोंय, दमण आनी दीव [2][पुदुच्चेरी] ह्या केंद्रशासीत प्रदेशाचें विधीमंडळ म्हूण कार्य करपी निकाय (संस्था) बरखास्त जातलो वा त्या निकायाचें अशा विधीमंडळाच्या नात्यान आशिल्लें कार्य, अनुच्छेद 239क च्या पोटकलम (1) हातूंत निर्दिश्ट केल्ल्या अशा खंयच्याय कायद्या खाला केल्ले कसलेय कारवायेक लागून स्थगीत जातलें तेन्ना तेन्ना राष्ट्रपतीन अशा बरखास्तेच्या वा स्थगितीच्या कालावधींत, त्या केंद्रशासीत प्रदेशांत शांतताय उरची आनी ताची उदरगत जावची आनी ताचें शासन सुरळीत जावचें हे खातीर विनेमन करूं येता.]

(2) हे प्रमाणें केल्ल्या कसल्याय नेमा वरवीं त्या केंद्रशासीत प्रदेशांक त्या-त्या काळांत लागू आसतलो असो संसदेन केल्लो कसलोय अधिनेम वा [3][हेर कसलोय कायदो] हांचें निरसन वा ताचो बदल करूं येता आनी तो विनेम राष्ट्रपती कडल्यान प्रख्यापीत जातलो तेन्ना त्या राज्यक्षेत्राक लागू आशिल्ल्या संसदीय अधिनेमा इतलोच प्रभावी आनी परिणामक जातलो.]

**241. केंद्रशासीत प्रदेशां खातीर उच्च न्यायालयां.—**(1) संसदेन कायद्या वरवीं [4][खंयच्याय केंद्रशासीत प्रदेशा खातीर] उच्च न्यायालय घडोवं येता वा [5][अश्या खंयच्याय राज्यक्षेत्रांतलें] खंयचेंय न्यायालय ह्या संविधानाच्या सगल्या वा तातूंतल्या खंयच्याय प्रयोजना खातीर उच्च न्यायालय आसा अशें घोशीत करूं येता.

(2) भाग VIचे प्रकरण Vचे उपबंध हे अनुच्छेद 214 हातूंत उल्लेखीत उच्च न्यायालयाच्या संबंदांत जशे लागू जातात, तशेच ते संसद कायद्या वरवीं उपबंध करतली अशीं आपरिवर्तनां वा आडवाद हांचे सयत, पोटकलम (1) हातूंत उल्लेखीत दर एका उच्च न्यायालयाच्या संबंदांत लागू आसतले.

[6][(3) ह्या संविधानाचो उपबंध आनी समुचीत विधीमंडळान ह्या संविधाना वरवीं वा ताचे खाला त्या विधीमंडळाक प्रदान केल्ल्या अधिकाराच्या आदारान केल्ल्या खंयच्याय कायद्याचो उपबंध हांचे अधीनतायेन, संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, हाच्या आरंभाचे निकटपूर्व खंयच्याय केंद्रशासीत प्रदेशाच्या संबंदांत न्यायाधिकारिताय वापरपी दर एक उच्च न्यायालय त्या राज्यक्षेत्राच्या संबंदांत अशा आरंभा उपरांत असो न्यायाधिकारितायेचो वापर चालूच दवरतलें.

(4) ह्या अनुच्छेदांतले खंयचेय बाबीक लागून, राज्याच्या उच्च न्यायालयाची न्यायाधिकारिताय खंयच्याच केंद्रशासीत प्रदेशाचेर वा ताच्या खंयच्याच भागाचेर विस्तारीत करपाचो वा ताचे पासून वर्जीत करपाचो संसदेचो अधिकार उणो करिना.]

**242.** [*कूर्ग.*].—*संविधान (सातवो बदल) अधिनेम,* 1956, *कलम* 29 *आनी अनुसुची* (1-11-1956 *हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें.*

---

[1] संविधान (सत्ताविसावो बदल) अधिनेम, 1971, कलम 4 (15-2-1972 हे तारखे सावन लागू ) वरवीं निविश्ट केलें.

[2] पुदुच्चेरी (नांवांत फेरबदल) अधिनेम, 2006 (2006चो 44वो), कलम 4 (1-10-2006 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पुदुच्चेरी" हे सुवातेर घालें.

[3] संविधान (सत्ताविसावो बदल) अधिनेम, 1971, कलम 4 (15-2-1972 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "खंयचोय विद्यमान कायदो" हे सुवातेर घालें.

[4] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम 1956, कलम 29 (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पयले अनुसुचीच्या भाग (ग) हातूंत विनिर्दिश्ट राज्य" हे सुवातेर घालें.

[5] कित्तो- कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "अशें राज्य" हे सुवातेर घालें.

[6] कित्तो- कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं पोटकलम (3) आनी (4) हे सुवातेर घालें.

# [1][भाग IX
# पंचायती

**243. व्याख्या.**—जे मेरेन संदर्भा प्रमाणें हेर तरेन अपेक्षीत नासत ते मेरेन, ह्या भागांत,—

(क) "जिल्लो" म्हणल्यार खंयच्याय राज्यांतलो एक जिल्लो;

(ख) "ग्रामसभा" म्हणल्यार गांव पांवड्याचेर पंचायत क्षेत्रा भितर आसपाविल्ल्या खंयच्याय गांवा कडेन संबंदीत मतदार वळेरेंत नोंदणीकृत व्यक्तींचें मेळून जाल्लें मंडळ;

(ग) "मध्यवर्ती स्तर" म्हणल्यार जिल्लो पांवड्याचो मदलो असो स्तर जाका खंयच्याय राज्याचो राज्यपाल, ह्या भागाच्या प्रयोजना खातीर, भौशीक अधिसुचोवणे वरवीं, मध्यवर्ती स्तराच्या रुपान विनिर्दिश्ट करतलो;

(घ) "पंचायत" म्हणल्यार गांवगिऱ्या वाठारां खातीर अनुच्छेद 243ख चे अधीनतायेन घडयिल्ली स्वायत्त स्वशासन संस्था (तिका मागीर खंयच्याय नांवान वळखूं येता);

(ङ) "पंचायत क्षेत्र" म्हणल्यार पंचायतीचो प्रादेशीक वाठार;

(च) "लोकसंख्या" म्हणल्यार अशे निमाणे पुर्ववर्ती जनगणनेंत अभिनिश्चीत केल्ली संख्या जिचे सुसंगत आंकडे उजवाडा आयल्यात;

(छ) "गांव" म्हणल्यार राज्यपालान ह्या भागाच्या प्रयोजना खातीर, भौशीक अधिसुचोवणे वरवीं गांवाच्या रुपान विनिर्दिश्ट केल्लो गांव आनी हाचे अंतर्गत अशे तरेन विनिर्दिश्ट केल्ल्या गांवांचो समूह आसपावता.

**243क. ग्रामसभा.**—ग्रामसभा, गांव पांवड्यार, राज्याचें विधीमंडळ, कायद्या वरवीं उपबंधीत करीत अशे अधिकार आनी कृत्यां चालीक लायतली.

**243ख. पंचायतींची घडण.**—(1) दर एका राज्यांत, गांव, मध्यवर्ती आनी जिल्लो स्तराचेर ह्या भागाच्या उपबंधां प्रमाणें पंचायतींची घडण करतले.

(2) पोटकलम (1) हातूंत कितेंय आसलें तरी, मध्यवर्ती स्तराचेर ज्या राज्याची लोकसंख्या वीस लाखां परस चड ना, त्या राज्यांत घडण जावंक पावची ना.

**243ग. पंचायतींची रचणूक.**—(1) ह्या भागाच्या उपबंधांचे अधीनतायेन, खंयच्याय राज्याच्या विधीमंडळाच्यान, कायद्या वरवीं, पंचायतीचे रचणुके विशीं उपबंध करूं येतात:

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पयले अनुसुचीच्या भाग (घ)तले प्रदेश आनी ते अनुसुचींत निर्दिश्ट करूंक नाशिल्ले हेर प्रदेश" हाचे कडेन संबंदीत आशिल्लो मूळ भाग IX काडलें आनी उपरांत संविधान (त्र्यात्तरावो बदल) अधिनेम, 1992, कलम 2 (24-4-1993 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

ताका शर्त अशी कीं, खंयच्याय स्तराचेर पंचायतीच्या प्रादेशीक क्षेत्राचे जनसंख्येचें, अशे पंचायतींत वेंचणुके मार्फत भरतले त्या सुवातांचे संख्येचें प्रमाण, वेव्हार्य जाय मेरेन, पुराय राज्यांत शक्य जायत तितलें समसमान आसचें.

(2) खंयचेय पंचायतीचे सगले जागे, पंचायत वाठारांत मतदारसंघांतल्यान प्रत्यक्ष वेंचणुके वरवीं वेंचून आयिल्ल्या वांगड्यां वरवीं भरतले आनी ह्या प्रयोजना खातीर दर एका पंचायत क्षेत्राक प्रादेशीक मतदारसंघांनी अशे रितीन विभाजीत करतले कीं दर एका मतदारसंघाची लोकसंख्या आनी वांटून दिल्ल्या सुवातांची संख्या हांचें प्रमाण, वेव्हार्य जाय मेरेन, सबंद पंचायत वाठारांत समसमान आसतलें.

(3) खंयच्याय राज्याच्या विधीमंडळाच्यान कायद्या वरवीं—

(क) ग्राम स्तरा वयल्या पंचायतींच्या अध्यक्षांचें मदल्या स्तरा वयल्या पंचायतींनी, वा मदल्या स्तरार पंचायती नाशिल्ल्या राज्याचे बाबींत जिल्लो स्तरा वयल्या पंचायतींनी;

(ख) मदल्या स्तरा वयल्या पंचायतींच्या अध्यक्षांचें जिल्लो स्तरा वयल्या पंचायतींनी;

(ग) लोकसभेच्या अशा वांगड्यांचें आनी राज्याचे विधानसभेच्या अशा वांगड्यांचें जे त्या मतदारसंघाचें प्रतिनिधित्व करतात, जातूंत अशे पंचायतींत गांव स्तरा परस वेगळ्या स्तराचेर खंयचोय पंचायत वाठार पुरायेन वा अंशतायेन आसपावीत आसा;

(घ) राज्यसभा वांगड्यांचें आनी राज्य विधान परिशदेच्या वांगड्यांचें जंय ते—

(i) मदल्या स्तरा वयले पंचायतींत, स्तरा वयल्या खंयच्याय पंचायत वाठारा भितर मतदारांच्या रुपान नोंदणीकृत आसात थंय;

(ii) जिल्लो स्तरा वयले पंचायतींत, स्तरा वयल्या खंयच्याय पंचायत वाठारा भितर मतदारांच्या रुपान नोंदणीकृत आसात थंय,

प्रतिनिधित्व करपा खातीर उपबंध करूं येता.

(4) खंयचेय पंचायतीचो अध्यक्ष आनी खंयचेय पंचायतीचे असले हेर वांगडी हांकां, मागीर ते पंचायत वाठारांत प्रादेशीक मतदारसंघांतल्यान प्रत्यक्ष वेंचणुके वरवीं वेंचून आयिल्ले आसूं वा नासूं, त्या पंचायतींच्या बसकांनी मत दिवपाचो अधिकार आसतलो.

(5)(क) गांव स्तरा वयले खंयचेय पंचायतीचो अध्यक्ष, राज्याच्या विधीमंडळान, कायद्या वरवीं उपबंधीत केल्या आसत अशे रितीन वेंचून काडटले; आनी

(ख) मदल्या स्तरा वयले वा जिल्लो स्तरा वयले खंयचेय पंचायतीचो अध्यक्ष, तिच्या वेंचून आयिल्ल्या वांगड्यां वरवीं तांचे मदल्यांतलो वेंचून काडटले.

**243घ. जाग्यांचें आरक्षण.**—(1) दर एके पंचायतींत—

(क) अनुसुचीत जाती; आनी

(ख) अनुसुचीत जमाती,

हांचे खातीर सुवातो आरक्षीत आसतल्यो आनी अशे तरेन आरक्षीत जाग्यांचे संख्येचें प्रमाण तशेंच आसतलें जें त्या पंचायत वाठारांत अनुसुचीत जातींचें वा त्या पंचायत वाठारांत अनुसुचीत जमातींचे संख्येचें प्रमाण त्या वाठाराचे वट्ट जनसंख्ये कडेन आसा आनी अशे जागे खंयचेय पंचायतींत वेगळ्या-वेगळ्या मतदारसंघांक चक्रानुक्रमान वांटून दिवं येत.

(2) पोटकलम (1) खाला आरक्षीत जाग्यांतले एक-तृतियांशा परस उणे न्हय इतले जागे, अनुसुचीत जातींतल्या वा अनुसुचीत जमातींतल्या जशें आसत तशें, अस्तुऱ्यां खातीर आरक्षीत आसतले.

(3) दर एके पंचायतींत प्रत्यक्ष वेंचणुके वरवीं भरतले त्या जाग्यांचे वट्ट संख्येचे एक-तृतियांशा परस उणे न्हय इतले जागे (जांचे भितर अनुसुचीत जातींच्या आनी अनुसुचीत जमातींतल्या अस्तुऱ्यां खातीर आरक्षीत जाग्यांची संख्याय आसपावता) अस्तुऱ्यां खातीर आरक्षीत आसतले आनी अशे जागे खंयचेय पंचायतींत वेगळ्या-वेगळ्या मतदारसंघांक चक्रानुक्रमान वांटून दिवंक मेळत.

(4) गांव वा हेर खंयच्याय स्तराचेर पंचायतींनी अध्यक्षांचीं पदां अनुसुचीत जाती, अनुसुचीत जमाती आनी अस्तुऱ्यो हांचे खातीर राज्याचें विधीमंडळ, कायद्या वरवीं, उपबंध करीत अशे रितीन आरक्षीत आसतलीं:

ताका शर्त अशी कीं, खंयच्याय राज्यांत दर एका स्तराचेर पंचायतींनी अनुसुचीत जातीं खातीर आनी अनुसुचीत जमातीं खातीर आरक्षीत अध्यक्षाच्या पदांचे संख्येचें प्रमाण, दर एका स्तराचेर त्या पंचायतींनी अश्या पदांचे वट्ट संख्येच्या तश्याच प्रमाणांत आसतलें जें त्या राज्यांत अनुसुचीत जाती आनी अनुसुचीत जमाती हांचें प्रमाण त्या राज्याचे वट्ट लोकसंख्ये कडेन आसा:

ताका आनीक शर्त अशी कीं, दर एका स्तराचेर पंचायतींनी अध्यक्षांच्या पदांचे वट्ट संख्येच्या तृतियांशा परस उणीं न्हय इतलीं पदां अस्तुऱ्यां खातीर आरक्षीत आसतलीं:

ताका आनिकूय शर्त अशी कीं, ह्या पोटकलमा खाला आरक्षीत पदांची संख्या दर एका स्तरा वयल्या विंगड विंगड पंचायतींक चक्रानुक्रमान वांटून दितले.

(5) पोटकलम (1) आनी पोटकलम (2) हांचे खाला जाग्यांचें आरक्षण आनी पोटकलम (4)चे खाला अध्यक्षांच्या पदांचें आरक्षण (अस्तुऱ्यां खातीरच्या आरक्षणा परस वेगळें) अनुच्छेद 334 हातूंत विनिर्दिश्ट कालावधी सोंपतकूच प्रभावी आसचें ना.

(6) ह्या भागांतली खंयचीय बाब खंयच्याय राज्याच्या विधीमंडळाक मागास वर्गांतल्या नागरिकांच्या खंयच्याच वर्गाचे बाबतींत खंयच्याय स्तराचेर खंयचेय पंचायतींतल्या जाग्यांच्या वा पंचायतींनी अध्यक्षांच्या पदांच्या आरक्षणा खातीर कसलोय उपबंध करपा पसून वंचीत करची ना.

**243ङ. पंचायतींचो कार्यकाळ आदी.**—(1) दर एक पंचायत जर त्या वेळार विद्यमान कायद्याखाला बेगीन बरखास्त केल्ली नासत जाल्यार, आपणाले पयले बसके खातीर थारायिल्ले तारखे सावन पांच वर्सां मेरेन तशीच चालू उरतली. ताचे परस चड काळ मात ना.

(2) त्या-त्या वेळार अमलांत आशिल्ल्या अशा खंयच्याय कायद्याच्या खंयच्याय बदलाक लागून, खंयच्याय स्तराचेर अशे पंचायतीची, जी अशा बदलाचे निकटपूर्व कार्यरत आसा, तिची पोटकलम (1) हातूंत विनिर्दिश्ट कार्यकाळ सोंप मेरेन बरखास्ती जावची ना.

(3) खंयचेय पंचायतीची घडण करचे खातीर वेंचणूक—

(क) पोटकलम (1) हातूंत विनिर्दिश्ट तिच्या कार्यकाळाचे समाप्ते पयलीं;

(ख) तिचे बरखास्तेचे तारखेच्या स म्हयन्यांच्या कार्यकाळाचे समाप्ते पयलीं पूर्ण करतले:

ताका शर्त अशी कीं, जंय हो उरिल्लो कार्यकाळ, जातूंत खंयचीय बरखास्त पंचायत चालूच उरतली आशिल्ली, तो स म्हयन्यां परस उणो आसत, थंय अशा कार्यकाळा खातीर ते पंचायतीची घडण करपा खातीर ह्या पोटकलमाखाला कसलीय वेंचणूक करप गरजेचें आसचें ना.

(4) खंयचेय पंचायतीच्या कार्यकाळाचे समाप्ते पयलीं, ते पंचायतीचे बरखास्ते उपरांत घडयिल्ली खंयचीय पंचायत ही पोटकलम (1) खाला, ज्या उरिल्ल्या कार्यकाळा खातीर ती बरखास्त पंचायत, तिची बरखास्ती जावंक नासल्यार चालूच उरतली आशिल्ली, त्या उरिल्ल्या काळा खातीर चालू उरतली.

**243च. वांगडीपणा खातीर अपात्रतायो.**—(1) कोणूय व्यक्ती खंयचेय पंचायतीची वांगडी म्हूण वेंचून येवपाक आनी वांगडी जावचे खातीर अपात्र जातली—

(क) जर ती संबंदीत राज्याच्या वेंचणुकांच्या प्रयोजना खातीर त्या वेळार विद्यमान अशा खंयच्याय कायद्या वरवीं वा ताचे खाला अशे तरेन अपात्र केल्ली आसा:

ताका शर्त अशी कीं, कोणूच व्यक्ती ह्याच एका आदाराचेर अपात्र थारची ना कीं तिची पिराय पंचवीस वर्सां परस उणी आसा, जर तिणें एकवीस वर्सांची पिराय पूर्ण केल्या;

(ख) जर ती त्या राज्याच्या विधीमंडळान केल्ल्या खंयच्याय कायद्या वरवीं वा ताचे खाला अशे तरेन अपात्र थारायल्या.

(2) जर असो प्रस्न उप्रासलो कीं खंयचेय पंचायतीचो कोणूय वांगडी पोटकलम (1) हातूंत वर्णन केल्ले खंयचेय अपात्रतायेन परिणामीत जाला काय ना, जाल्यार तो प्रस्न राज्याच्या विधीमंडळान कायद्या वरवीं उपबंध केल्ल्या अश्या प्राधिकरणा कडेन त्या कायद्या प्रमाणें फावो ते रितीन सोडोवपा खातीर प्रस्तूत करतले.

**243छ. पंचायतींचे अधिकार, प्राधिकार आनी जबाबदाऱ्यो.**—संविधानाच्या उपबंधाचे अधीनतायेन रावन खंयच्याय राज्याच्या विधीमंडळाच्यान, कायद्या वरवीं पंचायतीक अशे अधिकार आनी प्राधिकार दिवंक येत जे तांकां स्वशासन संस्थांच्या रुपान कार्य करपांत समर्थ करपा खातीर गरजेचे आसतीत आनी अशा कायद्यांत पंचायतींक समचीत स्तराचेर, तातूंत विनिर्दिश्ट अश्या अटीं खाला रावन सकयल्या बाबींच्या संबंदांत अधिकार आनी जबाबदारी प्रदान करपा खातीर उपबंध करूंक मेळत, त्यो म्हणल्यार—

(क) अर्थीक विकास आनी समाजीक न्याय हांचे खातीर येवजण्यो तयार करप;

(ख) अर्थीक विकास आनी समाजीक न्याय हांच्या असल्या येवजण्यांनी, ज्यो तांचेर सोंपयतले, तातूंत त्योय येवजण्यो आसपावतल्यो ज्यो इकरावे अनुसुचींत आशिल्ल्या विशयांच्या संबंदांत आसात, त्योय कार्यान्वीत करप.

**243ज. पंचायतीं वरवीं कर बसोवपाचे अधिकार आनी पंचायतींचे निधी.**—खंयच्याय राज्याचें विधीमंडळ, कायद्या वरवीं,—

(क) अशे कर, शुल्कां, पथकर आनी फी लावप, वसूल करप आनी त्यो विनियोजीत करपा खातीर खंयचेय पंचायतीक अशे प्रक्रिये प्रमाणें आनी अशा निर्बंधांचे अधीनतायेन प्राधिकृत करूं येता;

(ख) राज्य सरकारा वरवीं लायिल्ले आनी वसूल केल्ले कर, शुल्कां, पथकर आनी फी खंयचेय पंचायतीक अश्या प्रयोजनां खातीर, तशेंच अश्यो अटी आनी निर्बंध हांचे अधीनतायेन, पंचायतींचेर सोंपोवं येतात;

(ग) राज्याच्या एकवटीत निधींतल्यान पंचायतीं खातीर कसलेंय पालव-अनुदान दिवपा खातीर उपबंध करूं येता; आनी

(घ) पंचायतीं वरवीं वा तांचे वतीन क्रमशा आयिल्लो सगलो निधी जमा करपा खातीर अशा निधीची घडण करपाक आनी तातूंतल्यान धन काडपा खातिरूय उपबंध करूं येता,

जें कायद्यांत विनिर्दिश्ट केल्लें आसतलें.

**243झ. वित्तीय स्थितीचो फेरनियाळ करपा खातीर वित्त आयोगाची घडण.**—(1) राज्याचो राज्यपाल, संविधान (त्र्यात्तरावो बदल) अधिनेम, 1992च्या आरंभा सावन, जाता तितले बेगीन, एका वर्सा भितर आनी ताचे उपरांत, दर पांच वर्सांचे समाप्ते उपरांत, वित्त आयोगाची घडण करतलो जो पंचायतींचे वित्तीय स्थितीचो फेरनियाळ करतलो आनी जो—

(क)(i) राज्यान लावन वसूल केल्ल्या करांची, शुल्कांची, पथकरांची तशेंच फीची निव्वळ येणावळ राज्य आनी पंचायत हांचे भितर वांटपा खातीर कायद्यान जी ह्या भागा खाला वांटणी करपाचें निश्चीत केलां ते प्रमाणें पंचायतींच्या सगल्या स्तरांचेर वेवस्था करून घेतलो;

(ii) असल्या करांचें, शुल्कांचें, पथकरांचें आनी फीचें निर्धारण करपाक, जे पंचायतीं कडेन वसूल करूंक सोंपोवं येतात वा विनियोजीत करूं येतात;

(iii) राज्याच्या एकवटीत निधींतल्यान पंचायतीं खातीर पालव-अनुदानाक शासीत करपाच्या तत्वांचे बाबतींत;

(ख) पंचायतींची वित्तीय स्थिती सुदारपा खातीर गरजेचीं पावलां उखलपा संबंदान;

(ग) पंचायतींचे सुदृढ अर्थीक स्थितीच्या हिताखातीर राज्यपाला वरवीं वित्त आयोगाक प्रस्तूत केल्ल्या खंयच्याय हेर विशयांत, शिफारस करतलो.

(2) राज्याचें विधीमंडळ, कायद्या वरवीं आयोगाचे रचणुके विशीं, आयोगाचे वांगडी म्हूण नियुक्त करतना गरजेच्यो आशिल्ल्यो पात्रतायो आनी वांगड्यांची निवड करपाची पद्दत, हांचे विशीं उपबंध करतले.

(3) आयोग, आपणाली कार्यपद्दत निश्चीत करतलो आनी ताका आपणाल्या कार्यांक पाळो दिवंक, राज्याचें विधीमंडळ कायद्या वरवीं ताका प्रदान करतलें असले अधिकार आसतले.

(4) राज्यपाल, ह्या पोटकलमाचे अधीनतायेन आयोगा मार्फत केल्ले दर एके शिफारशीक ताचेर केल्ले कारवायेचे फोडणिशे सयत, राज्याच्या विधीमंडळा मुखार दवरूंक लायतलो.

**243ञ. पंचायतींच्या लेख्यांची लेखापरिक्षा.**—खंयच्याय राज्याच्या विधीमंडळाच्यान, कायद्या वरवीं, पंचायती वरवीं लेखे दवरप आनी अश्या लेख्यांची तपासणी करपा संबंदांत उपबंध करूं येत.

**243ट. पंचायती खातीर वेंचणुको**—(1) पंचायतीं खातीर जावपी सगल्या वेंचणुकां खातीर, मतदार वेळेरी तयार करून घेवपाचें आनी त्या सगल्या वेंचणुकांच्या संचालनाची देखरेख, निदेशन आनी नियंत्रण एका राज्य वेंचणूक आयोगा कडेन निहीत आसतलें, जातूंत एक राज्य वेंचणूक आयुक्त आसतलो जाची नेमणूक राज्यपाला कडल्यान जातली.

(2) खंयच्याय राज्याच्या विधीमंडळा वरवीं केल्ल्या खंयच्याय कायद्याच्या उपबंधाचे अधीनतायेन राज्य वेंचणूक आयुक्ताच्यो सेवा-अटी आनी पदावधी हीं अशीं असतलीं, जीं राज्यपाल नेमां प्रमाणें थारायत:

ताका शर्त अशी कीं, राज्य वेंचणूक आयुक्ताक ताच्या पदा वयल्यान तेच रितीन आनी त्याच आदाराचेर काडटले, जे रितीन आनी ज्या आदाराचेर उच्च न्यायालयाच्या न्यायाधिशाक काडटात, हेर भशेन न्हय, आनी राज्य वेंचणूक आयुक्ताचे सेवेच्या अटींनी नेमणुके उपरांत ताका बादिकार जायत असले कसलेच बदल करचे नात.

(3) राज्य वेंचणूक आयोग, जेन्ना अशी विनंती करीत, तेन्ना खंयच्याय राज्याचो राज्यपाल राज्य वेंचणूक आयोगाक तितलो कर्मचारी वर्ग मेळोवन दितलो जितलो पोटकलम (1) हाचे वरवीं वेंचणूक आयोगाक ताचेर सोंपयिल्लीं कार्यां निभावपा खातीर गरजेचो आसत.

(4) ह्या संविधानाच्या उपबंधांचे अधीनतायेन, खंयच्याय राज्याच्या विधीमंडळ कायद्या वरवीं, पंचायतींच्या वेंचणुकां कडेन संबंदीत वा निगडीत अशा सगल्या विशयां संबंदीं उपबंध करीत.

**243ठ. केंद्रशासीत प्रदेशांक लागू जावप.—**ह्या भागाचे उपबंध केंद्रशासीत प्रदेशांक लागू जातले आनी खंयच्याय केंद्रशासीत प्रदेशांक ते लागू करतना, ते राज्याच्या राज्यपालाचे उल्लेख हे जशे परीं अनुच्छेद 239 खाला नियुक्त केल्ल्या केंद्रशासीत प्रदेशांच्या प्रशासकाचे उल्लेख आशिल्ल्यान आनी राज्याच्या विधीमंडळाचे वा विधानसभेचे उल्लेख हे जशे परीं विधानसभा आशिल्ल्या केंद्रशासीत प्रदेश वाठारा संदर्भांत ते विधानसभेचे उल्लेख आशिल्ल्यान ते विधानसभेक ते लागू जातले:

ताका शर्त अशी कीं, राष्ट्रपतीच्यान भौशीक अधिसुचोवणे वरवीं असो निदेश दिवं येत कीं ह्या भागाचे उपबंध ते अधिसुचोवणेंत तो विनिर्दिश्ट करीत अशा आडवादां आनी आपरिवर्तनांचे अधीन रावन खंयच्याय केंद्रशासीत प्रदेशाक वा ताच्या भागाक लागू जातले.

**243ड. कांय क्षेत्रांक हो भाग लागू जायनासप.—**(1) ह्या भागांतलें कांयच अनुच्छेद 244चें पोटकलम (1) हातूंत उल्लेखीत अनुसुचीत क्षेत्रां आनी तांच्या पोटकलम (2) हातूंत उल्लेखीत जनजाती क्षेत्रांक लागू जावची ना.

(2) ह्या भागांतलें कितेंच सकयल दिल्ल्यांक लागू जावचें ना—

(क) नागालॅण्ड, मेघालय आनी मिझोराम राज्यां;

(ख) मणिपूर राज्यांतले अशे दोंगरी वाठार जांचे खातीर त्या काळांत थंय लागू आशिल्ल्या खंयच्याय कायद्याचे अधीनतायेन जिल्लो परिशदो विद्यमान आसात.

(3) ह्या भागातलें कितेंच—

(क) जिल्लो स्तरवयल्या पंचायतींच्या संबंदांत पश्चीम बंगाल राज्याच्या दार्जिलींग जिल्ल्याच्या अशा दोंगरी वाठारांक लागू जावचें ना जांचे खातीर त्या काळापुरतो लागू आशिल्ल्या कसल्याय कायद्याचे अधीनतायेन दार्जिलींग गुरखा परिशद विद्यमान आसा;

(ख) अशा कायद्याचे अधीनतायेन घडयिल्ले दार्जिलींग गुरखा दोंगरी परिशदेच्या कार्यांचेर आनी अधिकारांचेर परिणाम करतलें असो अर्थ घेवचे नात.

[1][(3क) अनुसुचीत जातीं खातीर जाग्यांच्या आरक्षणा कडेन संबंदीत अनुच्छेद 243घ तलें कितेंच अरुणाचल प्रदेश राज्याक लागू जावचें ना.]

(4) ह्या संविधानांत कितेंय आसलें तरी,—

(क) पोटकलम (2)चें उप-पोटकलम (क) हातूंत उल्लेख केल्ल्या खंयच्याय राज्याच्या विधीमंडळच्यान कायद्या वरवीं ह्या भागाचो विस्तार, त्या राज्याक पोटकलम (1) हातूंत उल्लेखीत खंयचेय आसत जाल्यार त्या वाठारांचो आडवाद करून जेन्ना त्या राज्याची विधानसभा ह्या अर्थाचो एक थाराव त्या सभाघराचे वट्ट वांगडी संख्येच्या भोवमतान तशेंच त्या सभाघरांत हाजीर आशिल्ल्या आनी मतदान करतल्या वांगड्यांच्या उण्यांत उण्या दोन-तृतियांश भोवमता वरवीं पास करतली तेन्ना करूं येत;

(ख) संसदेच्यान, कायद्या वरवीं, ह्या भागाच्या उपबंधांचो विस्तार पोटकलम (1) हातूंत उल्लेखीत अनुसुचीत वाठार आनी आदिवासी वाठारांचेर आसत अशा आडवादांचे आनी आपरिवर्तनांचे अधीन रावन करूं येता आनी असल्या खंयच्याय कायद्याक अनुच्छेद 368च्या प्रयोजना खातीर तो ह्या संविधानाचो बदल अशें मानचे नात.

**243ढ. विद्यमान कायदे आनी पंचायती हांचे चालू उरप.**—ह्या भागांत कितेंय आसलें तरी, संविधान (त्र्यात्तरावो बदल) अधिनेम, 1992च्या आरंभाचे निकटपूर्व खंयच्याय राज्यांत लागू आशिल्ल्या, पंचायतीं कडेन संबंदीत खंयच्याय कायद्याचो खंयचोय उपबंध, जो ह्या भागाच्या उपबंधा कडेन विसंगत आसत, जे मेरेन सक्षम विधीमंडळा वरवीं वा हेर सक्षम प्राधिकरणा वरवीं तातूंत बदल वा निरसन करप जायना वा जे मेरेन अशा आरंभा सावन एक वर्स सोंपना, हातूंतलें जें पयलीं घडटा ते मेरेन अमलांत आसप चालू उरतलें:

ताका शर्त अशी कीं, अशा आरंभाचे निकटपूर्व विद्यमान सगल्यो पंचायती ज्यो त्या राज्याचे विधानसभे वरवीं वा अश्या राज्याचे बाबतींत जातूंत विधान परिशद आसा, त्या राज्याच्या विधीमंडळाच्या दर एका सभाघरा वरवीं पास केल्ल्या त्या अर्थाच्या थारावा वरवीं बेगीन बरखास्त करप जायना, तेन्ना आपणालो कालावधी सोंपसर तश्योच उरतल्यो.

**243ण. वेंचणुकां संबंदीं प्रकरणांनी न्यायालयांच्या हस्तक्षेपाक मनाय.**—ह्या संविधानांत कितेंय आसलें तरी,—

(क) अनुच्छेद 243ट चे अधीनतायेन केल्ल्या वा करचे खातीर अभिप्रेत आशिल्ल्या खंयच्याय कायद्याची ग्राह्यताय, जो मतदारसंघाचें परिसीमन वा अशा मतदारसंघाच्या जाग्यांचे वांटणे कडेन संबंदीत आसा, खंयच्याच न्यायालयांत प्रश्नास्पद करचे नात;

(ख) खंयचेय पंचायतीची खंयचीय वेंचणूक, राज्याच्या विधीमंडळा वरवीं केल्ल्या खंयच्याय कायद्या वरवीं वा ते वरवीं उपबंध केल्ल्या प्राधिकरणा कडेन आनी तशे रितीन वेंचणूक विनंती अर्ज सादर केल्या बगर, हेर रितीन प्रस्नास्पद करपाक मेळची ना.

---

[1] संविधान (त्र्यांयश्यांवो बदल) अधिनेम, 2000, कलम 2 (8-9-2000 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

# [1][भाग IXक
# नगरपालिका

**243त. व्याख्या.**—ह्या भागांत, जे मेरेन संदर्भा प्रमाणें हेर तरेन अपेक्षीत नासत,—

(क) "समिती" म्हणल्यार अनुच्छेद 243ध खाला घडयिल्ली समिती;

(ख) "जिल्लो" म्हणल्यार खंयच्याय राज्याचो एक जिल्लो;

(ग) "महानगर" म्हणल्यार धा लाख वा ताचे परस चड लोकसंख्येचो असो वाठार जातूंत एका परस चड जिल्ले आसपावतात आनी जो दोन वा हेर नगरपालिका वा पंचायती वा हेर संलग्न वाठारांचोमेळून जाता, तशेंच जाका राज्यपाल, ह्या भागाच्या प्रयोजना खातीर, भौशीक अधिसुचोवणे वरवीं, महानगर क्षेत्राच्या रुपान विनिर्दिश्ट करता;

(घ) "नगरपालिका वाठार" म्हणल्यार राज्यपाला कडल्यान अधिसुचीत खंयचेंय नगरपालिकेचो राज्यक्षेत्रीय वाठार;

(ङ) "नगरपालिका" म्हणल्यार अनुच्छेद 243थ खाला घडयिल्ली स्वशासनाची खंयचीय संस्था;

(च) "पंचायत" म्हणल्यार अनुच्छेद 243ख चे अधीनतायेन घडयिल्ली खंयचीय पंचायत;

(छ) "लोकसंख्या" म्हणल्यार अशे निमाणे पुर्ववर्ती जनगणनेंत अभिनिश्चीत केल्ली लोकसंख्या जिचे संबद्ध आंकडे उजवाडा आयल्यात.

**243थ. नगरपालिकांची घडण.**—(1) दर एका राज्यांत, ह्या भागाच्या उपबंधांक अनुसरून,—

(क) खंयच्याय संक्रमणशील वाठारा खातीर, म्हणल्यार, गांवगिऱ्या वाठारा सावन नगर वाठारांत संक्रमण जायत आशिल्ल्या वाठारा खातीर एके नगर पंचायतीची (मागीर तें खंयच्याय नांवान वळखतात आसूं);

(ख) खंयच्याय ल्हानशा नागरी वाठारा खातीर नगरपालिका मंडळाची; आनी

(ग) खंयच्याय व्हडल्याश्या नगर वाठारा खातीर म्हापालिकेची घडण करतले:

---

[1] संविधान (चवद्यात्तरावो बदल) अधिनेम, 1992, कलम 2 (1-6-1993 हे तारखे सावन लागू) वरवीं भाग IXक निविश्ट केलें.

ताका शर्त अशी कीं, ह्या पोटकलमा खाला खंयचीय नगरपालिका अशा नागरी वाठारांत वा ताच्या खंयच्याय भागांत घडूंक पावची ना, जिका राज्यपाल, त्या वाठाराचो आकार आनी त्या वाठारांत खंयच्याय उद्देगीक आस्थापना वरवीं दिवप जाता वा दिवपा खातीर प्रस्तावीत अश्यो नगरपालिका सेवा आनी ताका योग्य दिसतीत अशे हेर घटक, जे मतींत दवरून, भौशीक अधिसुचोवणे वरवीं, उद्देगीक नगरीच्या रुपान विनिर्दिश्ट करीत.

(2) ह्या अनुच्छेदांत, "संक्रमणशील वाठार", "ल्हान नागरी वाठार" वा "व्हडलेंशें नागरी वाठार" म्हणल्यार असो वाठार अभिप्रेत आसा जाका राज्यपाल, ह्या भागाच्या प्रयोजना खातीर त्या वाठाराची लोकसंख्या, तातूंतली लोकसंख्येची घनताय, थळाव्या प्रशासना खातीर उत्पन्न जावपी म्हासूल, बिगर शेतकी उपक्रमांतलो प्रतिशें रोजगार, अर्थीक म्हत्व वा हेर बाबींक, ज्यो ताका योग्य दिसतीत, मतींत दवरून भौशीक अधिसुचोवणे वरवीं विनिर्दिश्ट करीत.

**243द. नगरपालिकांची रचणूक.**—(1) पोटकलम (2) हातूंत जसो उपबंध आसा, खंयचेय नगरपालिकेचे सगले जागे नगरपालिका वाठारांत राज्यक्षेत्रीय मतदारसंघांतल्यान प्रत्यक्ष वेंचणुके वरवीं वेंचिल्ल्या व्यक्तीं वरवीं भरतले आनी ह्या प्रयोजना खातीर दर एका नगरपालिका वाठाराक प्रादेशीक मतदारसंघांनी विभाजीत करतले, जांकां प्रभाग अशें म्हणटले.

(2) खंयच्याय राज्याचें विधीमंडळ, कायद्या वरवीं—

(क) नगरपालिकेंत—

(i) नगरपालिका प्रशासनाचें विशेश गिन्यान वा अणभव आसपी व्यक्ती;

(ii) लोकसभेच्या अशा वांगड्यां आनी राज्याचे विधानसभेच्या अशा वांगड्यांचें, जे त्या मतदारसंघाचें प्रतिनिधित्व करतात, जातूंत खंयचोय नगरपालिका वाठार पुरायेन वा अंशता आसपावला;

(iii) राज्यसभेच्या अशा वांगड्यांचें आनी राज्याचे विधान परिशदेच्या अशा वांगड्यांचें, जे नगरपालिका वाठार भितर मतदारांच्या रुपान नोंदणीकृत आसात;

(iv) अनुच्छेद 243ध चें पोटकलम (5) खाला घडयिल्ल्या समित्यांच्या अध्यक्षांचें;
प्रतिनिधित्व करपा खातीर उपबंध करीत:

ताका शर्त अशी कीं, परिच्छेद (i) हातूंत निर्दिश्ट व्यक्तींक नगरपालिकेच्या बसकांनी मत दिवपाचो अधिकार आसचो ना;

(ख) खंयचेय नगरपालिकेच्या अध्यक्षाचे वेंचणुकेचे रितीचो उपबंध करूंक पावतले.

**243ध. प्रभात समित्यो आदी हांची घडण आनी रचणूक.**—(1) तीन लाख वा चड लोकसंख्या आशिल्ल्या नगरपालिकांच्या राज्यक्षेत्रीय वाठारांत, एका वा चड प्रभागांचो आसपाव आशिल्ल्या प्रभाग समित्यांची घडण करतले.

(2) राज्याचें विधीमंडळ, कायद्या वरवीं—

(क) प्रभाग समितीची रचणूक आनी तिच्या राज्यक्षेत्रीय वाठाराचे बाबतींत;

(ख) खंयचेय प्रभाग समितींत सुवातो भरपाचे रितीचे बाबतींत उपबंध करूंक शकत.

(3) प्रभाग समितीच्या राज्यक्षेत्रीय वाठारा भितर खंयच्याय प्रभागाचें प्रतिनिधित्व करपी खंयचेय नगरपालिकेचो वांगडी ते समितीचो वांगडी जातलो.

(4) जंय खंयचीय प्रभाग समिती—

(क) एका प्रभागाची जाता, थंय नगरपालिकेत त्या प्रभागाचें प्रतिनिधित्व करपी वांगडी; वा

(ख) दोन वा चड प्रभागांची मेळून जाता, थंय नगरपालिकेंत अशा प्रभागांचें प्रतिनिधित्व करपी वांगड्यांतलो, ते प्रभाग समितीच्या वांगड्यांनी वेंचून काडिल्लो एक वांगडी,

ते समितीचो अध्यक्ष जातलो.

(5) ह्या अनुच्छेदांतलें कितेंच खंयच्याय राज्याच्या विधीमंडळाक प्रभाग समित्यां खेरीज आनीक समित्यांची घडण करपाक कसलोय उपबंध करूंक मनाय करता, अशें मानचे नात.

**243न. सुवातांचें आरक्षण.**—(1) दर एके नगरपालिकेंत अनुसुचीत जाती आनी अनुसुचीत जमातीं खातीर सुवातो आरक्षीत आसतल्यो आनी अशे तरेन आरक्षीत सुवातांचे संख्येचें प्रमाण ते नगरपालिकेंत प्रत्यक्ष वेंचणुके वरवीं भरतले त्या सुवातांचे वट्ट संख्ये कडेन जायत ते परीं तितलेंच आसतलें जेंत्या नगरपालिका वाठारांत अनुसुचीत जातींचें वा नगरपालिका वाठारांत अनुसुचीत जमातींचे लोकसंख्येचें प्रमाण त्या वाठाराचे वट्ट लोकसंख्ये कडेन आसा, आनी अश्यो सुवातो नगरपालिकेच्या विंगड विंगड मतदारसंघांक चक्रानुक्रमान वांटून दिवंक मेळत.

(2) पोटकलम (1) खाला आरक्षीत सुवातांचे वट्ट संख्येच्या परस उण्यो न्हय इतल्यो एक-तृतियांश सुवातो, अनुसुचीत जाती वा अनुसुचीत जमातींतल्या अस्तुऱ्यां खातीर आरक्षीत करतले.

(3) दर एके नगरपालिकेंत प्रत्यक्ष वेंचणुके वरवीं भरतले त्या सुवातांचे वट्ट संख्येचे परस उणे न्हय इतले एक-तृतियांश जागे जातूंत अनुसुचीत जाती आनी अनुसुचीत जमातींतल्या अस्तुऱ्यां खातीर आरक्षीत जाग्यांची संख्याय आसपावता, अस्तुऱ्यां खातीर आरक्षीत उरतले आनी अशे जागे खंयचेय नगरपालिकेच्या विंगड विंगड मतदारसंघांक चक्रानुक्रमान वांटून दिवंक मेळत.

(4) नगरपालिकांनी अध्यक्षांचीं पदां अनुसुचीत जाती, अनुसुचीत जमाती आनी बायलां खातीर अशे रितीन आरक्षीत उरतलीं जे परीं राज्याचें विधीमंडळ, कायद्या वरवीं उपबंधीत करीत.

(5) पोटकलम (1) आनी (2) हांचे खाला सुवातांचें आरक्षण आनी पोटकलम (4) खाला अध्यक्षांच्या पदांचें आरक्षण (जें अस्तुऱ्यां खातीरच्या आरक्षणा परस वेगळें आसा) अनुच्छेद 334 हातूंत विनिर्दिश्ट समाप्ते उपरांत प्रभावी उरचें ना.

(6) ह्या भागातलें कितेंच, खंयच्याय राज्याच्या विधीमंडळाक मागास नागरिकांच्या खंयच्याय वर्गाचे बाबतींत खंयचेच नगरपालिकेंत सुवातांच्या वा नगरपालिकांनी अध्यक्षांच्या पदांच्या आरक्षणा खातीर, कसलोय उपबंध करपा पसून वंचीत करची ना.

**243प. नगरपालिकांचो कार्यकाळ आदी.—**(1) दर एक नगरपालिका, जरी त्या काळांत लागू आशिल्ल्या खंयच्याय कायद्या खाला बेगीन बरखास्त केली ना जाल्यार, आपणाले पयले बसके खातीर थारायिल्ले तारखे सावन पांच वर्सां मेरेन चालू उरतली, ताचे परस चड न्हय:

ताका शर्त अशी कीं, खंयचेय नगरपालिकेचे बरखास्तेचे पयलीं तिका सुनावणेचो फावोसो वेळ दितले.

(2) लागू आशिल्ल्या खंयच्याय कायद्याच्या खंयच्याय बदलाक लागून खंयच्याय स्तराचेर अशी नगरपालिका, जी अशा बदलाचें निकटपूर्व कार्य करीत आसा, ते मेरेन बरखास्त जावची ना, जे मेरेन पोटकलम (1) हातूंत विनिर्दिश्ट, तिचो कार्यकाळ समाप्त जायना.

(3) खंयचेय नगरपालिकेची घडण करपा खातीर वेंचणूक,—

(क) पोटकलम (1) हातूंत विनिर्दिश्ट, तिच्या कार्यकाळाचे समाप्ते पयलीं;

(ख) तिचे बरखास्तेचे तारखे सावन स म्हयन्यांच्या कालावधीचे समाप्ते पयलीं पुराय करतले:

ताका शर्त अशी कीं, जंय तो उरिल्लो कालावधी, जाचे खातीर बरखास्त नगरपालिका अस्तित्वांत उरता, स म्हयन्यां परस उणो आसा, थंय अशा कालावधी खातीर ते नगरपालिकेची घडण करपा खातीर ह्या पोटकलमाचे अधीनतायेन खंयचीय वेंचणूक घडोवन हाडप गरजेचें आसचें ना.

(4) खंयचेय नगरपालिकेचो कार्यकाळ समाप्त जावचे पयलीं, ते नगरपालिकेचे बरखास्ते उपरांत घडीत केल्ली खंयचीय नगरपालिका ही, जर बरखास्त नगरपालिकेची बरखास्ती जावंक नाशिल्ली जाल्यार पोटकलम (1) खाला ज्या उरिल्ल्या कालावधी खातीर चालू उरतली आशिल्ली, तितल्याच उरिल्ल्या कालावधी खातीर तशीच चालू उरतली.

**243फ. वांगडीपणा खातीर अपात्रताय.**—(1) कोणूय व्यक्ती खंयचेय नगरपालिकेचो वांगडी म्हूण वेंचून येवपा खातीर आनी वांगडी जावपा खातीर अपात्र आसतली—

(क) जर ती संबंदीत राज्याच्या विधीमंडळाच्या वेंचणुकांच्या प्रयोजनां खातीर त्या वेळार लागू आशिल्ल्या खंयच्याय कायद्या वरवीं वा ताचे खाला अशे तरेन अपात्र थारता:

ताका शर्त अशी कीं, खंयचेय व्यक्तीन एकवीस वर्सांची पिराय पूर्ण केल्या आसत जाल्यार, फकत तिची पिराय पंचवीस वर्सां परस उणी आसा ह्या आदाराचेर तिका अपात्र थारावचे नात;

(ख) जर ती राज्याच्या विधीमंडळा वरवीं केल्ल्या खंयच्याय कायद्या वरवीं वा ताचे खाला अशे तरेन अपात्र थारता.

(2) खंयचेय नगरपालिकेचो कोणूय वांगडी पोटकलम (1) हातूंत नमूद केल्ले खंयचेय तरेन अपात्र थारला काय कितें हे बाबतींत कसलोय प्रस्न उप्रासलो जाल्यार, तो प्रस्न, राज्याचें विधीमंडळ कायद्या वरवीं उपबंध करीत अशे रितीन आनी अश्या प्राधिकरणा कडेन निर्णया खातीर निर्देशीत करतले.

**243ब. नगरपालिकेचे अधिकार, प्राधिकार आनी जबाबदाऱ्यो, आदी.**—ह्या संविधानाच्या उपबंधांचे अधीनतायेन खंयच्याय राज्य विधीमंडळ कायद्या वरवीं—

(क) नगरपालिकांक अशे अधिकार आनी प्राधिकार प्रदान करूंक पावतलें जे तांकां स्वायत्त स्वराज्य संस्थांच्या रुपान कार्य करपाक समर्थ करपा खातीर गरजेचे जायत आनी अशा कायद्यांत नगरपालिकांक, अश्या अटींचे अधीनतायेन ज्यो तातूंत विनिर्दिश्ट केल्ल्यो आसतीत, सकयल्या बाबींच्या संबंदांत अधिकार आनी जबाबदाऱ्यो घेवंक उपबंध करूं येतात, त्यो म्हणल्यार—

(i) अर्थीक विकास आनी समाजीक न्याया खातीर येवजण्यो तयार करप;

(ii) अश्या कृत्यांक पाळो दिवप आनी अश्या येवजण्यांक, ज्यो तांचेर सोंपयिल्ल्यो आसतीत, जातूंत त्योय येवजण्यो आसतल्यो ज्यो बारावे अनुसुचींत आसपावीत विशयांच्या संबंदांत चालीक लावप;

(ख) समित्यांक अशे अधिकार आनी प्राधिकार दिवं येत जे तांकां तांचेर सोंपयिल्ल्या जबाबदाऱ्यांक, जांचे अंतर्गत ते जापसालदार आसात, जे बारावे अनुसुचींत आसपावीत विशयांच्या संबंदांत आसात, तांचे सयत चालीक लावपांत समर्थ करपा खातीर गरजेचे आसतात.

**243भ. नगरपालिकां वरवीं कर बसोवपाचो अधिकार आनी तांचे निधी.**—खंयच्याय राज्याचें विधीमंडळ, कायद्या वरवीं, त्या कायद्यांत विनिर्दिश्ट करपाक जायत ते प्रमाणें,—

(क) अशे कर, शुल्कां, पथकर आनी फी लावप, तांची वसुली करपा खातीर आनी ते विनियोजीत करपा खातीर खंयचेय नगरपालिकेक अशे कार्यपद्दतीक अनुसरून आनी अशा निर्बंधांचे अधीन रावन, प्राधिकृत करूंक पावतलें;

(ख) राज्य सरकारा वरवीं लागू केल्ले आनी वसूल केल्ले असले कर, शुल्कां, पथकर आनी फी खंयचेय नगरपालिकेक, अश्या प्रयोजना खातीर तशेंच अश्या अटींचेर आनी निर्बधांचे अधीन रावन, नेमून दिवंक पावत;

(ग) राज्याच्या संचीत निधींतल्यान नगरपालिके खातीर अशें सहाय्यक अनुदान दिवपा खातीर उपबंध करूंक पावतलें; आनी

(घ) नगरपालिकां वरवीं वा तांचे वतीन क्रमशा मेळयिल्ले सगले दुडू एकठांय करचे खातीर अशा निधींची घडण करपाक आनी त्या निधींतल्यान अशे दुडू काडपा खातिरूय उपबंध करूंक जमतलें.

**243म. वित्त आयोग.**—(1) अनुच्छेद 243झ खाला घडयिल्लो वित्त आयोग नगरपालिकांचे अर्थीक स्थितीचोय फेरनियाळ करतलो आनी फुडल्या बाबींच्या संबंदांत राज्यपाला कडेन शिफारस करतलो—

(क) फुडल्या बाबींचें नेमन करपी तत्वां—

(i) ह्या भागा प्रमाणें राज्य आनी नगरपालिका हांचे भितर वांटून दिवपाक मेळटले अशे, राज्या वरवीं आकारिल्ले कर, शुल्कां, पथकर आनी फी हांचे पसून मेळिल्ल्या निव्वळ उत्पन्नाचेर, राज्य आनी नगरपालिका हांचे मदीं वांटणी आनी अशे येणावळींतल्या तत्सम भागांचें सगल्या स्तरां वयल्या नगरपालिकां मदीं वांटप करप;

(ii) नगरपालिकां कडेन नेमून दिल्ले वा नगरपालिकां कडल्यान विनियोजीत केल्ले कर, शुल्कां, पथकर आनी फी हांचें निर्धारण करप;

(iii) राज्याच्या एकवटीत निधींतल्यान नगरपालिकां खातीर सहाय्यक अनुदाना शासीत करपी तत्वांच्या संबंदांत;

(ख) नगरपालिकांची अर्थीक स्थिती सुदारपा खातीर गरजेच्या उपायां संबंदांत;

(ग) नगरपालिकांचे सुदृढ अर्थीक स्थितीच्या हिताचे नदरेन राज्यपाला वरवीं वित्त आयोगाक निर्दिश्ट केल्ल्या खंयच्याय हेर विशयाच्या संबंदांत.

(2) राज्यपाल, ह्या अनुच्छेदा खाला आयोगा वरवीं केल्ले दर एके शिफारशीक, तिचेर केल्ले कारवायेच्या स्पश्टीकरणात्मक निवेदनपत्रा सयत राज्याच्या विधीमंडळा मुखार मांडूंक लायतलो.

**243य. नगरपालिकांच्या लेख्यांची तपासणी.**—खंयच्याय राज्याचें विधीमंडळ, कायद्या वरवीं, नगरपालिकांनी लेखे दवरप आनी अशा लेख्यांची तपासणी करप हांच्या संबंदांत, उपबंध करूंक पावत.

**243यक. नगरपालिकां खातीर वेंचणुको.**—(1) नगरपालिकांच्या सगल्या वेंचणुकां खातीर मतदार वळेऱ्यो तयार करून घेवपाचें आनी वेंचणूकांच्या संचालनाचें अधिक्षण, निदेशन आनी नियंत्रण अनुच्छेद 243ट हातूंत उल्लेखीत राज्य वेंचणूक आयोगांत निहीत आसतलें.

(2) ह्या संविधानाच्या उपबंधांचे अधीनतायेन, खंयच्याय राज्याच्या विधीमंडळाच्यान, कायद्या वरवीं, नगरपालिकांच्या वेंचणुकां कडेन संबंदीत वा निगडीत सगल्या विशयांच्या संबंदांत उपबंध करूं येत.

**243यख. केंद्रशासीत प्रदेशांक लागू जावप.**—ह्या भागाचे उपबंध, केंद्रशासीत प्रदेशांक लागू जातले आनी खंयच्याय केंद्रशासीत प्रदेशांक तांच्या लागू जावपांत अशे तरेन प्रभावी आसतले, जशे परीं खंयच्याय राज्याच्या राज्यपालाचे उल्लेख, अनुच्छेद 239 खाला नेमिल्ल्या केंद्रशासीत प्रदेशाच्या प्रशासकाचे उल्लेख प्रभावी आशिल्ले प्रमाणें आनी खंयच्याय राज्याचें विधीमंडळ वा विधानसभेचे उल्लेख खंयच्याय असल्या केंद्रशासीत प्रदेशाच्या संबंदांत, जातूंत विधानसभा आसा, थंय ते विधानसभेचे उल्लेख कशे प्रभावी आसतले:

ताका शर्त अशी कीं, राष्ट्रपतीच्यान, भौशीक अधिसुचोवणे वरवीं, असो निर्देश दिवं येता कीं ह्या भागाचे उपबंध, ते अधिसुचोवणेंत तो निर्दिश्ट करता अशा आडवादांचे आनी आपरिवर्तनांचे अधीनतायेन, खंयच्याय केंद्रशासीत प्रदेशाक वा ताच्या भागाक लागू जातल्यो.

**243यग. कांय वाठारांक हो भाग लागू जावचो ना.**—(1) ह्या भागातलें कितेंच अनुच्छेद 244चें पोटकलम (1) हातूंत उल्लेखीत अनुसुचीत वाठार आनी हाचें पोटकलम (2) हातूंत उल्लेखीत आदिवासी वाठार हांकां लागू जावचें ना.

(2) ह्या भागातलें कितेंच पश्चीम बंगाल राज्याच्या दार्जिलींग जिल्ल्याच्या दोंगरी वाठारां खातीर त्या काळापुरतो अमलांत आशिल्या खंयच्याय कायद्या खाला घडयिल्ले गुरखा दोंगरी परिशदेच्या कार्यांचेर आनी अधिकारांचेर परिणाम करता असो अर्थ लावचे नात.

(3) ह्या संविधानांत कितेंय आसलें तरी, संसद, कायद्या वरवीं, ह्या भागाच्या उपबंधाचो विस्तार पोटकलम (1) हातूंत निर्दिश्ट अनुसुचीत वाठार आनी आदिवासी वाठारांचेर, अशा आडवादांचे आनी आपरिवर्तनांचे अधीनतायेन करूंक पावतली, जे अशा कायद्यांत विनिर्दिश्ट आसतले आनी अशा कसल्याय कायद्याक अनुच्छेद 368च्या प्रयोजनां खातीर तो ह्या संविधानाचो बदल आसा अशें मानचे नात.

**243यघ. जिल्लो येवजणे खातीर समिती.**—(1) दर एका राज्यांत जिल्लो स्तराचेर, जिल्ल्यांतल्यो पंचायती आनी नगरपालिका हांणी तयार केल्ल्या येवजण्यांचें दृढीकरण करूंक आनी त्या संपूर्ण जिल्ल्या खातीर एक विकास येवजण मसुदो तयार करूंक एके विकास नियोजन समितीची घडण करतले.

(2) राज्याचें विधीमंडळ, कायद्या वरवीं, सकयल्या बाबतींनी उपबंध करूंक पावत, त्यो म्हणल्यार—

(क) जिल्लो नियोजन समित्यांची रचणूक;

(ख) अश्या समित्यांनी सुवातो भरतले ती रीत:

ताका शर्त अशी कीं, अशे समितीचे वट्ट वांगडी संख्येच्या परस उणे न्हय इतले चार पंचमांश वांगडी, जिल्लो स्तराचेर पंचायतीचे आनी जिल्ल्यांत नगरपालिकांच्या वेंचून आयिल्ल्या वांगड्यां वरवीं आपले भितर, जिल्ल्यांतल्या गांवगिऱ्या वाठाराचे आनी नागरी क्षेत्रांचे लोकसंख्येच्या प्रमाणा नुसार वेंचून काडटले;

(ग) जिल्लो नियोजना कडेन संबंदीत अशीं कार्यां जीं समित्यांचेर सोंपोवं येतात;

(घ) अश्या समित्यांचे अध्यक्ष वेंचून काडटले अशे तरेची रीत.

(3) दर एक नियोजन समिती, विकास प्रारूप तयार करतना,—

(क) सकयल्यो बाबी मतींत दवरतली, त्यो म्हणल्यार—

(i) पंचायती आनी नगरपालिका हांच्या सामान्य हितांचे विशय, जातूंत थळावी येवजण, उदक तशेंच हेर भौतीक आनी सैमीक संसाधनांनी भाग वांटप, सोंपेपणांचो एकात्मिकृत विकास आनी पर्यावरण राखण आसात;

(ii) उपलब्ध वित्तीय वा हेर संसाधनांची व्याप्ती आनी प्रकार;

(ख) राज्यपाल, आदेशा वरवीं निर्दिश्ट करीत, अशा संस्थां कडेन आनी संघटणां कडेन सल्ल्या खातीर संपर्क दवरतली.

(4) अशे समितीन शिफारस केल्ले प्रमाणें, दर एके जिल्लो नियोजन समितीचो अध्यक्ष विकास येवजण राज्य सरकाराक धाडटलो.

**243यङ. म्हानगर नियोजना खातीर समिती.—**(1) दर एका म्हानगर क्षेत्रांत, संपूर्ण म्हानगर क्षेत्रा खातीर विकास नियोजनाचें प्रारूप तयार करपा खातीर, एके म्हानगर नियोजन समितीची घडण करतले.

(2) राज्याचें विधीमंडळ, कायद्या वरवीं सकयल्या बाबींनी उपबंध करूंक पावतलें, तें म्हणल्यार—

(क) म्हानगर नियोजन समित्यांची रचणूक;

(ख) जिचे वरवीं अश्या समित्यांनी जागे भरतले अशी रीत:

ताका शर्त अशी कीं, अशे समितीच्या वांगड्यांच्या दोन-तृतियांशा परस उणे नात इतले वांगडी, त्या क्षेत्राच्या नगरपालिकांच्या आनी पंचायतींच्या लोकसंख्येच्या प्रमाणा नुसार, त्या म्हानगर क्षेत्रांतल्या नगरपालिकां कडल्यान वेंचून आयिल्ल्या वांगड्यां कडल्यान आनी तांचे मदल्यान आनी पंचायतींच्या अध्यक्षां वरवीं आनी तांचे मदल्यान वेंचून काडटले;

(ग) अश्या समित्यांनी भारत सरकार आनी राज्य सरकार तशेंच अश्यो संघटणा आनी संस्था हांचें प्रतिनिधित्व, जें अश्या समित्यांचीं नेमून दिल्लीं कार्यां फुडें व्हरपा खातीर गरजेचें आसा अशें मानतले;

(घ) म्हानगर क्षेत्रा खातीर नियोजन आनी समन्वय हांचे कडेन संबंदीत अशीं कार्यां जीं अश्या समित्यां कडेन सोंपयतले;

(ङ) अश्या समित्यांच्या अध्यक्षांक जे पद्दतीन वेंचून काडटले ती रीत.

(3) दर एक म्हानगर नियोजन समिती, विकास नियोजन प्रारूप तयार करतना,—

(क) सकयल्यो बाबी मतींत दवरतली, त्यो म्हणल्यार—

(i) म्हानगर क्षेत्रांत नगरपालिकांनी आनी पंचायतींनी तयार केल्ल्यो येवजण्यो;

(ii) नगरपालिका आनी पंचायती हांच्या सामान्य हितांचे विशय, जातूंत त्या क्षेत्राची समन्वीत थळावी येवजण, उदक तशेंच हेर भौतीक आनी सैमीक साधनांचो वांटो विभाजीत करप, सोंपेपणांचो एकात्मिकृत विकास आनी पर्यावरण राखण आसा;

(iii) भारत सरकार आनी राज्य सरकार हांचे वरवीं थारायिल्ले वट्ट उद्देश आनी अग्रक्रम;

(iv) भारत सरकार आनी राज्य सरकार हांच्या अभिकरणां वरवीं म्हानगर क्षेत्रांत जावपाचो संभव आशिल्ले गुंतवणुकीची तशेंच हेर उपलब्ध साधनांची, मागीर तीं वित्तीय वा हेर आसूं येतात, व्याप्ती आनी स्वरूप;

(ख) अश्या संस्थां कडेन आनी संघटणां कडेन सल्ल्या खातीर संपर्क दवरतली जांकां राज्यपाल आदेशा वरवीं विनिर्दिश्ट करीत.

(4) अशे समितीन शिफारस केल्ले प्रमाणें, दर एके म्हानगर नियोजन समितीचो अध्यक्ष, विकास येवजण राज्य सरकाराक धाडटलो.

**243यच. विद्यमान कायदे आनी नगरपालिका अस्तित्वांत उरप.**—ह्या भागांत कितेंय आसपावीत आसलें तरी, संविधान (चवद्यात्तरावो बदल) अधिनेम, 1992च्या आरंभाक खंयच्याय निकटपूर्व राज्यांत अस्तित्वांत आशिल्ल्या नगरपालिकां कडेन संबंदीत खंयच्याय कायद्याचो खंयचोय उपबंध, जो ह्या भागाच्या उपबंधा कडेन विसंगत आसा, जे मेरेन सक्षम विधीमंडळा वरवीं वा हेर सक्षम प्राधिकरणा वरवीं ताचो बदल वा निरसन जायना वा जे मेरेन अशा आरंभा पयलीं सावन समाप्त जायना, हातूंतली खंयचीय बाब पयलीं जायत, ते मेरेन लागू आशिल्लो तसोच चालू उरतलो:

ताका शर्त अशी कीं, अशा आरंभाचे निकटपूर्व विद्यमान सगल्यो नगरपालिका जरी त्या राज्याचे विधानसभे वरवीं वा अशा राज्याचे बाबतींत, जातूंत विधान परिशद आसा, त्या राज्याच्या दर एका सभाघरा वरवीं पास केल्ल्या अशा अर्थाच्या संकल्पा वरवीं पयलीं सावन बरखास्त करप जायना जाल्यार त्यो आपणालो कार्यकाळ सोंप मेरेन चालूच उरतल्यो.

**243यछ. वेंचणुकां संबंदीं प्रकरणांनी न्यायालयांची हस्तक्षेपाक मनाय.**—ह्या संविधानांत कितेंय आसपावीत आसलें तरीय,—

(क) अनुच्छेद 243यक चे अधीनतायेन केल्ल्या वा करपा खातीर तात्पर्यीत अशा कसल्याय कायद्याची विधी मान्यताय जो मतदारसंघाचें परिसीमन वा अशा मतदारसंघांच्या जाग्यांचे वांटणे कडेन संबंदीत आसा, खंयच्याच न्यायालयांत प्रस्नगत करूंक मेळचें ना;

(ख) खंयचेय नगरपालिके खातीर खंयचीय वेंचणूक, अशा अर्जाचेरूय प्रस्नगत करतले जो अशा प्राधिकरणा कडेन अशे रितीन प्रस्नगत केल्या आसत जिचो खंयच्याय राज्य सरकाराच्या विधीमंडळा वरवीं केल्ल्या खंयच्याय कायद्या वरवीं वा ताचे अधीनतायेन उपबंध करूं येता, हरशीं ना.]

# [1][भाग IXख
# सहकारी संस्था

**243यज. व्याख्या.**—ह्या भागांत, जेन्ना संदर्भाक सोडून हेर भशेन गरज पडटा,—

(क) "मान्यतायप्राप्त व्यक्ती" म्हणल्यार अनुच्छेद 243यथ हातूंत उल्लेख केल्ली व्यक्ती;

(ख) "मंडळ" म्हणल्यार सहकारी सोसायटीचें संचालक मंडळ वा सहकारी सोसायटीचें कारभारी मंडळ, मागीर ताचें नांव कितेंय आसूं, जाचे कडेन सोसायटीच्या कारभाराचें वेवस्थापनाचें संचालन आनी नियंत्रण दिल्लें आसा अशें;

(ग) "सहकारी सोसायटी" म्हणल्यार, खंयच्याय राज्यांत त्या-त्या वेळार अंमलांत आशिल्ल्या सहकारी सोसायटीच्या कायद्या खाला नोंदणीकृत सोसायटी वा नोंदणी केल्या अशें मानिल्ली संस्था, असो आसा;

(घ) "भोवराज्यीय सहकारी सोसायटी" म्हणल्यार, ती सोसायटी जिचे उद्देश एका राज्या पुरते मर्यादीत नात आनी खंयच्याय राज्यांत त्या-त्या वेळार अंमलांत आशिल्ल्या सहकारी सोसायटीच्या कायद्या खाला नोंदणीकृत सोसायटी वा नोंदणी केल्या अशें मानिल्ली संस्था, असो आसा;

(ङ) "पदाधिकारी" म्हणल्यार सहकारी सोसायटीचो अध्यक्ष, उपाध्यक्ष, चॅरमन, व्हायस चॅरमन, सचीव वा भांडारी आनी खंयचेय सहकारी सोसायटीच्या मंडळान वेंचून काडपाचें आशिल्ले व्यक्तीचो आसपाव जाता;

(च) "निबंधक" म्हणल्यार भोवराज्यीय सहकारी सोसायटीं संबंदान केंद्र सरकारान नेमिल्लो केंद्रीय निबंधक आनी राज्य सरकारान सहकारी सोसायटीं संबंदान राज्य विधीमंडळान अधिनेम करून नेमिल्लो सहकारी सोसायटींचो निबंधक;

(छ) "राज्य अधिनेम" म्हणल्यार राज्य विधीमंडळान केल्लो कसलोय अधिनेम;

(ज) "राज्य पांवडो सहकारी सोसायटी" म्हणल्यार राज्यभर कार्य करीत आशिल्ली आनी राज्याच्या खंयच्याय अधिनेमांत व्याख्या केल्ली सहकारी सोसायटी.

**243यझ. सहकारी सोसायटींचो आसपाव.**—ह्या भागाच्या उपबंधांक धरून, राज्य विधीमंडळान, कायद्या वरवीं, आसपाव, नेमन आनी सहकारी सोसायटींचो कारभार सोंपोवप हांचे संबंदान आप निर्मणी, लोकशायी वांगडी नियंत्रण, वांगडी-अर्थीक सहभाग आनी स्वायत्त कारभार हांचे विशींचो उपबंध करूं येता.

---

[1] संविधान (सत्त्याण्णवावो बदल) अधिनेम, 2011, कलम 4 (15-2-2012 हे तारखे सावन लागू) वरवीं भाग IXख निविश्ट केलो.

**243यञ. मंडळाच्या वांगड्यांचो, पदाधिकाऱ्यांचो आंकडो आनी पदावधी.**—(1) राज्य विधीमंडळान, कायद्या वरवीं थारावन दिल्ल्या संचालकांचो आंकडो मंडळाचेर आसतलो:

ताका शर्त अशी कीं, एके सहकारी सोसायटीचे चडांत चड संचालक एकविसां परस चड आसचे नात:

ताका आनीक शर्त अशी कीं, राज्य विधीमंडळ, कायद्या वरवीं, व्यक्तीगत वांगड्यांचो आनी अनुसुचीत जातींतल्या वा अनुसुचीत जमातींतल्या आनी बायल वांगड्यांचो आसपाव आशिल्ल्या दर सहकारी संस्थेच्या मंडळाचेर, एक सुवात अनुसुचीत जातींक वा अनुसुचीत जमातींक आनी दोन सुवातो बायलांक राखून दवरपाचे उपबंध करतलें.

(2) मंडळाच्या वेंचून आयिल्ल्या वांगड्यांचो आनी पदाधिकाऱ्यांचो पदावधी वेंचणुकेचे तारखे सावन पांच वर्सां इतलो आसतलो आनी पदाधिकाऱ्यांचो पदावधी मंडळाच्या पदावधी इतलोच आसतलो:

ताका शर्त अशी कीं, जर मंडळाचो पदावधी, मूळ पदावधीच्या अर्दा परस उणो आसत जाल्यार, आनी मंडळांत निमित्तीक रिती सुवात आसल्यार, नामांकना वरवीं ती रिती सुवात वांगडी वर्गांतल्यान भरूंक जाय.

(3) राज्य विधीमंडळान, मंडळाचेर बँकींग, वेवस्थापन, अर्थकारण वा सहकारी सोसायटीचे उद्देश आशिल्ल्या हेर खंयच्याय क्षेत्रांतलो विशेश अणभव आशिल्ली व्यक्ती आनी तिणें हातांत घेतिल्ल्या कार्यां कडेन संबंदीत व्यक्ती असले सोसायटीचो वांगडी म्हूण वेंचून काडून घेवपाचो उपबंध कायद्या वरवीं करूं येता:

ताका शर्त अशी कीं, अशा स्विकृत वांगड्यांचो आंकडो हो पोटकलम (1)च्या परंतुकांत निर्दिश्ट केल्ले पयले अटींत सांगिल्ल्या एकवीस संचालकां भायर अतिरिक्त दोनां परस चड आसचो ना:

ताका आनीक शर्त अशी कीं, अशा स्विकृत वांगड्याक, सहकारी सोसायटीचे कसलेच वेंचणुकेंत मत दिवंक मेळचें ना वा तो मंडळाचो पदाधिकारी म्हूण वेंचून येवंक पात्र आसचो ना:

ताका आनिकूय शर्त अशी कीं, सहकारी सोसायटीचे कार्यकारी संचालक, हे मंडळाचे लेगीत वांगडी आसतले आनी अश्या वांगड्यांक, पोटकलम (1)तल्या पयल्या परंतुकांत स्पश्ट केल्ल्या संचालकांचो वट्ट आंकडो मेजतना भायर दवरतले.

**243यट. मंडळाच्या वांगड्यांची वेंचणूक.**—(1) राज्य विधीमंडळान केल्ल्या खंयच्याय कायद्यांत कितेंय आसलें जाल्यार लेगीत, मंडळाची वेंचणूक अस्तपी मंडळाच्या वांगड्यांचो पदावधी सोंपचे पयलीं घेवंक जाय, जाका लागून नव्यान वेंचून आयिल्ल्या मंडळाच्या वांगड्यांक ताबो घेवपाची निश्चिती जातली.

(2) राज्य विधीमंडळान, कायद्या वरवीं, उपबंध केल्ले भशेन, सहकारी सोसायटींच्यो सगल्या वेंचणुकांच्यो मतदार वळेऱ्यो तयार करपाचें पर्यवेक्षण, संचालन आनी नियंत्रण एके अधिकारिणी वा संस्थे कडेन आसतलें:

ताका शर्त अशी कीं, राज्य विधीमंडळ, कायद्या वरवीं, अश्या वेंचणुकांची पद्दत आनी मार्गदर्शक तत्वां हांचे खातीर उपबंध करतले.

**243यठ. मंडळाचें अधिदमन, निलंबन आनी अंतरीम वेवस्थापन.**—(1) तत्पुरत्या काळा खातीर अमलांत आशिल्ल्या खंयच्याय कायद्यांत कितेंय आसलें तरी, खंयच्याय मंडळाचें स म्हयन्यां परस चड काळा खातीर अधिदमन वा निलंबन करपाक मेळचें ना:

ताका शर्त अशी कीं, हे बाबतींत मंडळाचें अधिदमन वा निलंबन करूं येता—

(i) ताचे सतत गफलतीक लागून; वा

(ii) ताचें कर्तव्य करतना घाळपण; वा

(iii) मंडळान सहकारी सोसायटीच्या वा तिच्या वांगड्यांच्या हिता आड कसलीय पक्षपाती कृती केल्यार; वा

(iv) मंडळाचे रचनेंत वा कामकाजांत कोंडी आसप; वा

(v) राज्य विधीमंडळांत उपबंध केल्ले प्रमाणें अधिकारिणी वा संस्था, हांणी कायद्यान, अनुच्छेद 243यट च्या पोटकलम (2) अंतर्गत, राज्याच्या कायद्याच्या उपबंधांक धरून वेंचणुको घेवप टाळ्ळां:

ताका आनीक शर्त अशी कीं, हातूंत मुखार, जंय सरकार भागधारक ना वा सरकारान रीण वा अर्थीक आदार वा कसलीय हमी दिवंक ना थंय, अशे सहकारी संस्थेचें/ मंडळाचें अधिदमन वा निलंबन करपाक मेळचें ना:

ताका आनिकूय शर्त अशी कीं, सहकारी सोसायटी बँकिंगाचो वेव्हार करता आसत जाल्यार बँकींग नेमन अधिनेम, 1949 (1949चो 10वो) उपबंध लेगीत लागू आसतले:

ताका आनिकूय शर्त अशी कीं, भोवराज्यीय सहकारी सोसायटी सोडून, बँकिंगाचो वेव्हार करपी खंयचेय सहकारी सोसायटी बाबतींत, ह्या पोटकलमाच्या उपबंधांचो परिणाम म्हूण "स म्हयने" हाचे सुवातेर "एक वर्स" हीं उतरां वापरल्यांत.

(2) खंयच्याय मंडळाच्या अधिदमनाच्या संदर्भांत, अशे सोसायटीच्या वेव्हाराचें वेवस्थापन करपाक नेमिल्लो प्रशासक पोटकलम (1)त सांगिल्ले भशेन त्या काळा भितर वेंचणुको घेवपाची वेवस्था करतलो आनी वेवस्थापन वेंचून आयिल्ल्या मंडळा कडेन सुपूर्द करतलो.

(3) राज्य विधीमंडळाच्यान, कायद्या वरवीं, प्रशासकाचे सेवेच्या अटीं खातीर उपबंध करूं येता.

**243यड. सहकारी सोसायटींची हिशोब तपासणी.**—(1) राज्य विधीमंडळाच्यान, कायद्या वरवीं, सहकारी सोसायटींचो हिशोब सांबाळपा खातीर आनी अशी हिशोब तपासणी वित्तीय वर्साक उणीच एकदां तरी जावची असो उपबंध करूं येता.

(2) राज्य विधीमंडळ, कायद्या वरवीं, सहकारी सोसायटींची हिशोब तपासणी करपाक पात्र आसपी ऑडिटर, ऑडिटींग आस्थापनां हांची उण्यांत उणी पात्रताय आनी अणभव निश्चीत करतलें.

(3) दर एके सहकारी सोसायटीचो हिशोब पोटकलम (2)त सांगिल्ले भशेन सहकारी सोसायटीचे सर्वसादारण बसकेंत नेमिल्ल्या ऑडिटर वा ऑडिटींग आस्थापना वरवीं हिशोब तपासणी करून घेवची:

ताका शर्त अशी कीं, अशे ऑडिटर वा ऑडिटींग आस्थापनां हीं राज्य सरकारान वा राज्य सरकारान हे बाबतींत अधिकृत केल्ले अधिकारिणीन मान्य केल्ल्या पॅनलांतल्यान नेमिल्लीं आसचीं.

(4) दर एके सोसायटीच्या हिशोबांची तपासणी, हिशोब ज्या अर्थीक वर्साचे आसतले, तें वर्स सोंपपाच्या स म्हयन्यां भितर जावंक जाय.

(5) राज्य विधीमंडळान, कायद्या वरवीं सुचयलां ते पद्दतीन, राज्याच्या अधिनेमांत व्याख्या केल्या ते शिखर सहकारी सोसायटीच्या हिशोबाचो ऑडीट अहवाल राज्य विधीमंडळा मुखार मांडूंक जाय.

**243यढ. सगल्या वांगड्यांची सर्वसादारण बसका आपोवप.**—राज्य विधीमंडळ, अशा कायद्या वरवीं, कामकाज चलोवपाक, दर एके सहकारी सोसायटीच्या सगल्या वांगड्यांची वर्सुकी सर्वसादारण बसका राज्य विधीमंडळान कायद्या वरवीं थारायिल्ले प्रमाणें, अर्थीक वर्स सोंपतकूच स म्हयन्यां भितर घेवची असो उपबंध करतले.

**243यण. वांगड्याक माहिती मेळोवपाचो अधिकार.**—(1) राज्य विधीमंडळ, सहकारी संस्थेच्या दर एका वांगड्याक, सहकारी संस्थेच्या नियमीत दवरिल्ल्या वेव्हाराचीं पुस्तकां, माहिती आनी हिशोब अशा दर एका वांगड्याक पळोवपाचो कायद्या वरवीं उपबंध करतले.

(2) राज्य विधीमंडळ, कायद्या वरवीं, वांगड्यांक उण्यांत उण्या बसकांक हाजीर रावपाची सुनिश्चिती करून आनी दिल्ल्या प्रमाणांत उण्यांत उण्या पांवड्याच्या सेवांचो वापर करून, सहकारी संस्थांच्या वेवस्थापनांत वांगड्यांक वांटो घेवपाचो उपबंध अशा कायद्यान करतले.

(3) राज्य विधीमंडळ, कायद्या वरवीं, आपल्या वांगड्यांक सहकारी शिक्षण आनी प्रशिक्षण दिवपाचो उपबंध करतले.

**243यत. विवरणपत्रां.**—दर एके सहकारी संस्थेन, दर अर्थीक वर्स सोंपचे स म्हयन्यां भितर, राज्य सरकारान नियुक्त केल्ल्या प्राधिकरणाक सकयल दिल्ल्या बाबीं सयत विवरणपत्र दाखल करूंक जाय, त्यो अश्यो:—

(क) तिच्या कार्यावळींचो वर्सुको अहवाल;

(ख) तिचें लेखापरिक्षीत लेखाविवरण;

(ग) सहकारी संस्थांचे साबार बसकेन मान्य केल्ले प्रमाणें आलायत्या बाबींचो विलो लावपाची येवजण;

(घ) सहकारी संस्थेच्या पोटनेमांच्या बदलांची वळेरी, आसत जाल्यार;

(ङ) तिची सर्वसादारण सभा घेवपाची तारीख आनी वेळार वेंचणूक घेवपा संबंदींची घोशणा; आनी

(च) राज्य कायद्याच्या खंयच्याय उपबंधांक धरून निबंधकाक जाय आशिल्ली हेर खंयचीय माहिती.

**243यथ. गुन्यांव आनी दंड.**—(1) राज्य विधीमंडळाक, कायद्या वरवीं, सहकारी संस्थां कडेन संबंदीत गुन्यांवां विशीं आनी अशा गुन्यांवां खातीर दंडात्मक उपबंध करूंक जमतलें.

(2) पोटकलम (1) खाला राज्याच्या विधीमंडळान केल्ल्या कायद्यांत सकयल दिल्लें कृत्य वा टाळणी गुन्यांव म्हूण आसपावीत आसतली, म्हणल्यार:—

(क) कसलीय सहकारी संस्था वा तिचो अधिकारी वा वांगडी जाणा जावन फटीचें विवरणपत्र भरता वा फट माहिती दिता, वा कोणूय व्यक्ती तिका जाय आशिल्ली खंयचीय माहिती राज्य कायद्याच्या उपबंधा खाला हे वतीन अधिकृत केल्ले व्यक्तीक आपणा कडल्यान जाणा जावन दिना;

(ख) कोणूय व्यक्ती मुद्दाम वा कसलेंच वाजवी निमीत नासतना राज्य कायद्याच्या उपबंधा खाला जारी केल्ल्या खंयच्याय न्यायीक आपोवणें (समन्स), मागणी वा कायदेशीर लेखी आदेशाचें पालन करिना जाल्यार;

(ग) कोणूय नियोक्तो जो फावो त्या कारणा बगर, ताणें आपल्या कर्मचाऱ्या कडल्यान कापून घेतिल्ली रक्कम अशे कापून घेवपाचे तारखे सावन चवदा दिसां भितर सहकारी संस्थेक फारीक करिना जाल्यार;

(घ) कोणूय अधिकारी वा ताबेदार, जे सहकारी संस्थेचो तो अधिकारी वा ताबेदार आसा, ते सहकारी संस्थेचीं पुस्तकां, खातीं, दस्तावेज, नोंदी, रोख, प्रतिभुती आनी हेर मालमत्ता ताब्यांत घेवन मुद्दम अधिकृत व्यक्तीक सुपूर्द करिना जाल्यार; आनी

(ङ) जो कोणूय, मंडळाच्या वांगड्यांची वा पदाधिकाऱ्यांची वेंचणूक जावचे पयलीं, वेंचणुकेच्या वेळार वा उपरांत कसलीय भ्रश्ट पद्दत आपणायता जाल्यार.

**243यद. भोवराज्य सहकारी संस्थांक लागू.**—ह्या भागाच्यो तरतुदी भोवराज्य सहकारी संस्थांक लागू जातल्यो सोडून, "राज्याचें विधीमंडळ", "राज्य अधिनेम" वा "राज्य सरकार" हांचो अनुक्रमान "संसद", "केंद्रीय अधिनेम" वा "केंद्र सरकार" हांचो कसलोय संदर्भ आशिल्ले प्रमाणें अन्वयार्थ लायतले, ह्या आपरिवर्तनाचे अधीन रावन उल्लेख जातलो, असो अर्थ समजून घेवचो.

**243यध. केंद्रशासीत प्रदेशांक लागू जाता.**—ह्या भागाचे उपबंध, केंद्रशासीत प्रदेशांक लागू जातले आनी केंद्रशासीत प्रदेशांक लागू जातना जांकां विधानसभा ना त्या केंद्रशासीत प्रदेशांत विधीमंडळाचो संदर्भ अनुच्छेद 239 खाला नेमिल्ल्या ताच्या प्रशासकाक संदर्भ आशिल्ले भशेन आनी विधीमंडळ आशिल्ल्या संदर्भांत ताका विधानसभा आसत तेन्ना ते विधानसभेक लागू आसतले:

ताका शर्त अशी कीं, राष्ट्रपतीच्यान, राजपत्रांतले अधिसुचोवणे वरवीं, निर्देश करूं येता कीं खंयच्याय केंद्रशासीत प्रदेशाक वा ताच्या भागाक लागू जावच्यो नात अशें तो स्पश्ट करतलो.

**243यन. सध्याचे कायदे चालू दवरप.**—ह्या भागांत कितेंय आसपावीत आसलें तरी, संविधान (सत्त्याण्णवावो बदल) अधिनेम, 2011, सुरू जावचे निकटपूर्व, राज्यांत लागू आशिल्ल्या सहकारी संस्थां संबंदीत खंयच्याय कायद्याचो खंयचोय उपबंध, जो ह्या भागाचो उपबंधा कडेन विसंगत आसा आनी ते कायदे, सक्षम विधीमंडळान वा हेर सक्षम प्राधिकरणान बदल वा रद्द जायत मेरेन वा त्या बदला कायद्याचे सुरवाती सावन एक वर्स सोंपो मेरेन, जें आदीं येता तें, ते मेरेन लागू उरतलो.]

# भाग X

# अनुसुचीत क्षेत्रां आनी जनजाती क्षेत्रां

**244. अनुसुचीत क्षेत्रां आनी जनजाती क्षेत्रांचें प्रशासन.**—(1) पांचवे अनुसुचीचे उपबंध [1][आसाम, [2][, [3][मेघालय, त्रिपुरा आनी मिझोराम]] हीं राज्यां सोडल्यार] [4]*** हेर खंयच्याय राज्यांतलीं अनुसुचीत क्षेत्रां आनी अनुसुचीत जनजातीचें प्रशासन आनी नियंत्रण हांचे संबंदांत लागू जातले.

(2) सवे अनुसुचीचे उपबंध [1][आसाम, [2][, [5][मेघालय, त्रिपुरा आनी मिझोराम]]] हो केंद्रशासीत प्रदेश हातूंतल्या जनजाती क्षेत्रांच्या प्रशासनांच्या संबंदांत लागू आसतले.

[6]**[244क. आसामांतलीं विशिश्ट जनजाती क्षेत्रां आसपावीत आशिल्लें स्वायत्त राज्य घडोवप आनी ते खातीर थळाव्या विधीमंडळाची वा मंत्रीमंडळाची निर्मणी.**—(1) ह्या संविधानांत कितेंय आसलें तरी, संसदेच्यान कायद्या वरवीं आसाम राज्यांत, सवे अनुसुचींतल्यान 20व्या परिच्छेदा वांगडा जोडिल्ल्या तकट्यांतल्या [7][भाग I] हातूंत निर्दिश्ट केल्लीं सगलीं वा तातूंतली खंयचींय जनजाती-क्षेत्रां (पुरायेन वा अंशतायेन) आसपावीत आशिल्लें राज्य घडोवं येता आनी ताचे खातीर—

(क) त्या स्वायत्त राज्याचें विधीमंडळ म्हूण कार्य करपी एक निकाय-मागीर तो वेंचून दिवपाचो आसूं वा अंशतायेन वेंचून दिवपाचो आसूं, वा

(ख) एक मंत्रीमंडळ,

वा दोनूय घडोवं येतात आनी दर एकाच्या संबंदांत कायद्यांत विनिर्दिश्ट करतले अशी तांची घडण, अधिकार आनी कार्यां आसतलीं.

(2) पोटकलम (1) हातूंत निर्देशिल्ल्या अशा कसल्याय कायद्यां वरवीं, विशेशतायेन,—

---

[1] पुर्वोत्तर वाठार (फेररचणूक) अधिनेम, 1971 (1971चो 81वो), कलम 71 (21-1-1972 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "आसाम राज्य" हे सुवातेर घालें.

[2] संविधान (एकोणपन्नासावो बदल) अधिनेम, 1984, कलम 2 (1-4-1985 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "आनी मेघालय" हे सुवातेर घालें.

[3] मिझोराम राज्य अधिनेम, 1986 (1986चो 34वो), कलम 39 (20-2-1987 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "मेघालय आनी त्रिपुरा" हे सुवातेर घालें.

[4] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पयले अनुसुचीच्या भाग (क) वा भाग (ख) हातूंत विनिर्दिश्ट" हीं उतरां आनी अक्षरां काडलीं.

[5] मिझोराम राज्य अधिनेम, 1986 (1986चो 34वो), कलम 39 (20-2-1987 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "मेघालय आनी त्रिपुरा आनी मिझोराम केंद्रशासीत प्रदेश" हे सुवातेर घालें.

[6] संविधान (बाविसावो बदल) अधिनेम, 1969, कलम 2 (25-9-1969 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[7] पुर्वोत्तर वाठार (फेररचणूक) अधिनेम, 1971 (1971चो 81वो), कलम 71 (21-1-1972 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "भाग क" हे सुवातेर घालें.

(क) राज्य वळेरेंत वा समवर्ती वळेरेंत नमूद केल्ले कसलेय बाबी संबंदी स्वायत्त राज्याच्या विधीमंडळाक ताच्या संपूर्ण वा खंयच्याय भागा खातीर कायदे करपाचो अधिकार आसत तें विनिर्दिश्ट करूं येता, मागीर ती आसाम राज्याच्या विधीमंडळाक वगळून आसूं वा हेर तरेन आसूं;

(ख) स्वायत्त राज्याच्या शासनाधिकाराचे व्याप्तेंत खंयच्यो बाबी येतल्यो तें निश्चीत करूं येता;

(ग) आसाम राज्यान लायिल्ल्या कसल्याय कराची येणावळ राज्या कडेन संबंदीत आसत तितले मेरेन ती त्या स्वायत्त राज्याक नेमून दिवची अशें उपबंधीत करूं येता;

(घ) ह्या संविधानाच्या खंयच्याय कलमांतल्या राज्यासंबंदींच्या कसल्याय निर्देशांत, त्या स्वायत्त राज्या संबंदींच्या निर्देशाचो आसपाव आसा असो ताचो अर्थ लावचो अशेंय उपबंधीत करूं येता; आनी

(ङ) गरजेचे दिसतीत अशे पुरक, अनुशंगीक आनी परिणामी उपबंध करूं येतात.

(3) वयर सांगिल्ल्या अशा कसल्याय कायद्यांत बदल हो पोटकलम (2)च्या उप-पोटकलम (क) वा उप-पोटकलम (ख) हातूंत विनिर्दिश्ट केल्ल्यांतल्या बाबीं कडेन संबंदीत आसत तितले मेरेन ते संसदेच्या दर एका सभाघरांत हाजीर आशिल्ल्या आनी मतदान करपी वांगड्यां मदल्या उण्याच त्या दोन-तृतीयांश इतल्या वांगड्यांनी पास केल्या बगर परिणामक जावचे नात.

(4) ह्या अनुच्छेदांत निर्देशिल्ल्या अशा कसल्याच कायद्यांत, ह्या संविधानाचो जो बदल करता वा जाका लागून परिणामीं ह्या संविधानांत बदल जाता असो कसलोय उपबंध आसलो तरीय, तो कायदो अनुच्छेद 368च्या प्रयोजना खातीर ह्या संविधानाचो बदल आसा अशें मानचे नात.]

# भाग XI

# संघराज्य आनी राज्यां हांचे मदले संबंद

## प्रकरण I.—वैधानीक संबंध

*वैधानीक अधिकारांची विभागणी*

**245. संसदेन आनी राज्यांच्या विधीमंडळांनी केल्ल्या कायद्यांची व्याप्ती.**—(1) ह्या संविधानाच्या उपबंधांचे अधीनतायेन, संसदेच्यान भारताच्या संपूर्ण राज्यक्षेत्रा खातीर वा ताच्या खंयच्याय भागा खातीर कायदे करूं येतात.

(2) संसदेन केल्लो कसलोय कायदो राज्यक्षेत्रा भायर लागू जावं येता आनी ह्या कारणा वयल्यान तो बेकायदेशीर आसा अशें मानचे नात.

**246. संसदेन आनी राज्यांच्या विधीमंडळांनी केल्ल्या कायद्यांची विशयवस्तू.**—(1) पोटकलम (2) आनी (3) हातूंत कितेंय आसलें तरी संसदेक सातवे अनुसुचींत (ह्या संविधानांत "संघराज्य वळेरी" म्हूण निर्दिश्ट केल्ले) वळेरी Iत नमूद केल्ले खंयचेय बाबी संबंदीं कायदे करपाचो अनन्य सादारण अधिकार आसा.

(2) पोटकलम (3) हातूंत कितेंय आसलें तरी संसदेक, आनी पोटकलम (1)चे अधीनतायेन [1]*** खंयच्याय राज्याच्या विधीमंडळाक, सातवे अनुसुचींतले (ह्या संविधानांत "समवर्ती वळेरी" म्हूण निर्दिश्ट केल्ले) वळेरी IIIत नमूद केल्ले खंयचेय बाबी संबंदी कायदे करपाचो अधिकार आसा.

(3) पोटकलम (1) आनी (2) हांचे अधीनतायेन [1]*** खंयच्याय राज्याच्या विधीमंडळाक अश्या राज्या खातीर वा ताच्या खंयच्याय भागा खातीर, सातवे अनुसुचींतले (ह्या संविधानांत "राज्य वळेरी" म्हूण निर्दिश्ट केल्ले) वळेरी IIत नमूद केल्ले खंयचेय बाबी संबंदीं कायदे करपाचो अनन्यसादारण अधिकार आसा.

(4) संसदेक [2][खंयच्याय राज्यांत] आसपावीत नाशिल्ल्या अशा, भारताच्या राज्यक्षेत्राच्या खंयच्याय भागा खातीर कसलेय बाबी संबंदीं कायदे करपाचो अधिकार आसा - मागीर अशी बाब राज्य वळेरेंत नमूद केल्ली बाब आसली तरी हरकत ना.

[3][**246क. वस्तू आनी सेवा कर संबंदीं खाशेले उपबंध.**—(1) अनुच्छेद 246 आनी 254त खंयचीय बाब आसली तरी, संसद आनी पोटकलम (2) प्रमाणें दर एका राज्याच्या विधीमंडळाक, संघराज्य वा त्या राज्या वरवीं लादिल्ल्या वस्तू आनी सेवा करा संबंदान कायदे करपाची तांक आसतली.

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पयले अनुसुचीच्या भाग (क) वा भाग (ख) हातूंत विनिर्दिश्ट" हीं उतरां आनी अक्षरां काडलीं.

[2] कित्तो- कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पयल्या अनुसुचीच्या भाग (क) वा भाग (ख) हातूंत" हे सुवातेर घालें.

[3] संविधान (एकशें एकावो बदल) अधिनेम, 2016, कलम 2 (16-9-2016 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

(2) जंय वस्तूंची वा सेवांची वा दोगांचीय पुरवण, आंतरराज्य वेपार वा वाणिज्या वेळार जाता थंय संसदेक, वस्तू आनी सेवा कर हांचे विशीं कायदे करपाचो अनन्यसादारण अधिकार आसा.

*फोडणिशी.*—ह्या अनुच्छेदाचे उपबंध, अनुच्छेद 279क च्या पोटकलम (5)त उल्लेख केल्ल्या वस्तू आनी सेवा कराच्या संबंदांत, वस्तू आनी सेवा कर मंडळान शिफारस केल्ले तारखे सावन लागू जातले.]

**247. विशिश्ट अतिरिक्त न्यायालयांची स्थापना करपा खातीर उपबंध करपाचो संसदेचो अधिकार.**— ह्या प्रकरणांत कितेंय आसलें तरी, संघराज्य वळेरेंत नमूद केल्ले बाबीं संबंदीं संसदेन केल्ल्या कायद्यांचें वा कसल्याय विद्यमान आशिल्ल्या कायद्याचें चड बरे तरेन प्रशासन जावचें हे खातीर संसदेच्यान कसलींय अतिरिक्त न्यायालयां स्थापन करपा खातीर उपबंध करूं येतात.

**248. विधीविधानाचे अविशिश्ट अधिकार.**—(1) [1][अनुच्छेद 246क च्या अधीन, संसदेक] समवर्ती वळेरेंत वा राज्य वळेरेंत आसपाव करूंक ना अशे खंयचेय बाबी संबंदान अधिनेम करपाचो अनन्य सादारण अधिकार आसा.

(2) अशा अधिकारांत, त्या दोनांय मदले खंयचेच वळेरेंत उल्लेख जावंक नाशिल्लो कर लावपी कसलोय कायदो करपाच्या अधिकाराचो आसपाव आसतलो.

**249. राष्ट्रहिता खातीर राज्य वळेरेंतल्या विशया संदर्भांत विधीविधान करपाचो संसदेचो अधिकार.**— (1) ह्या प्रकरणांतले आदले तरतुदींत कितेंय आसलें तरी, राज्यसभेंत उपस्थीत आनी मत दिवपी सदस्यां मदले दोन-तृतियांश सदस्यां परस उणे न्हय अशा वांगड्यांनी तेंको दिल्ल्या थारावा वरवीं घोशीत केलां की, राष्ट्रहिताचे नदरेन गरजेचें वा उपयुक्त आसत जाल्यार, संसदेक [2][अनुच्छेद 246क च्या अधीन वस्तू आनी सेवा कर वा] राज्य वळेरेंत आसपावीत केल्ल्या विशया संबंदांत जे त्या थारावांत उल्लेखीत केल्ले आसात, कायदो केल्यार तो जो मेरेन थाराव अंमलांत आसा, ते मेरेन संसदेक त्या विशया संबंदान पुराय भारताच्या वा खंयच्याय भागा खातीर कायदे करपाचो अधिकार आसतलो.

(2) पोटकलम (1) खाला पास केल्लो थाराव, तातूंत विनिर्दिश्ट करतले अशा चडांत चड एका वर्साच्या कालावधी मेरेन लागू उरतलो:

ताका शर्त अशी कीं, जर आनी जेन्ना-जेन्ना अशा कसल्याय थारावाचो अंमल चालू दवरपाक मान्यताय दिवपी थाराव पोटकलम (1) हातूंत उपबंधांत केल्ले रितीन पास जायत जाल्यार आनी तेन्ना-तेन्ना, अशा थारावाचो अंमल ह्या पोटकलमा खाला हरशीं जे तारखेक बंद जावपाचो ते तारखे सावन फुडें एका वर्साच्या कालावधी मेरेन चालू उरतलो.

(3) पोटकलम (1) खाला थाराव पास जावंक नाशिल्लो जाल्यार, जो कायदो करपाक, संसद सक्षम जावची नाशिल्ली असो संसदेन केल्लो कायदो थारावाचो अंमल बंद जावपाच्या दिसा सावन स म्हयन्यांचो कालावधी सोंपना फुडें अक्षमतायेचे व्याप्ते मेरेन निश्परिणामक जातलो, मात वयलो कालावधी सोंपचे पयलीं त्या कायद्या वरवीं केल्ल्यो वा करपाचें वर्जीत केल्ल्यो बाबी हाका आडवाद आसतल्यो.

---

[1] संविधान (एकशें एकावो बदल) अधिनेम, 2016, कलम 3 (16-9-2016 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "संसद" हे सुवातेर घालें.

[2] कित्तो- कलम 4 (16-9-2016 हे तारखे सावन लागू ) वरवीं निविश्ट केलें.

**250. आणिबाणीची उद्घोशणा चालू आसतना राज्य वळेरेंत खंयचेय बाबी संबंदान विधीविधान करपाचो संसदेचो अधिकार.**—(1) ह्या प्रकरणांत कितेंय आसलें तरी, संसदेक आणिबाणीची उद्घोशणा लागू आसतना [1][अनुच्छेद 246क च्या अधीन वस्तू आनी सेवा कर वा] राज्य वळेरेंत नमूद केल्ले खंयचेय बाबी संबंदान पुराय भारताच्या वा ताच्या खंयच्याय भागा खातीर कायदे करपाचो अधिकार आसतलो.

(2) आणिबाणीची उद्घोशणा जावंक नाशिल्ली जाल्यार जो कायदो करूंक संसद सक्षम जावची नाशिल्ली असो संसदेन केल्लो कायदो उद्घोशणा लागू आसपाचें बंद जायत सावन स म्हयन्यांचो कालावधी सोंपना फुडें अक्षमतायेचे व्याप्ते मेरेन निश्परिणामक जातलो, मात वयलो कालावधी सोंपचे पयलीं त्या कायद्या वरवीं केल्ल्यो वा करपाचें वर्जीत केल्ल्यो बाबी हाका आडवाद आसतल्यो.

**251. संसदेन अनुच्छेद 249 आनी अनुच्छेद 250 हांचे खाला केल्ले कायदे आनी राज्यांच्या विधीमंडळांनी केल्ले कायदे हांचे मदली विसंगती.**—ह्या संविधाना खाला राज्य विधीमंडळाक जो कायदो करपाचो अधिकार आसा असो कसलोय कायदो करपाच्या ताच्या अधिकाराचेर अनुच्छेद 249 आनी अनुच्छेद 250, हातूंतले खंयचेच बाबीक लागून निर्बंध पडचो ना, पूण, जर राज्य विधीमंडळान केल्लो कायद्याचो खंयचोय उपबंध हो वयल्या अनुच्छेदा मदल्या खंयच्याय अनुच्छेदा खाला जो कायदो करपाचो संसदेक अधिकार आसा अशा संसदीय कायद्याच्या खंयच्याय उपबंधांक प्रतिकूल आसत जाल्यार, संसदेन केल्लो कायदो - मागीर तो राज्य विधीमंडळान केल्ल्या कायद्याचे पयलीं पास जाल्लो आसूं वा मागीर जाल्लो आसूं - चड परिणामक थारतलो, आनी राज्य विधीमंडळान केल्लो कायदो, प्रतिकूलतायेचे व्याप्ते पुरतो, पूण संसदेन केल्लो कायदो परिणामकारक आस मेरेनूच, निश्परिणामक जातलो.

**252. दोन वा चड राज्यां खातीर तांचे संमतीन विधीविधानाचो हेर खंयच्याय राज्या कडल्यान अंगिकार.**—(1) जरी दोन वा चड राज्यांच्या विधीमंडळांक, अनुच्छेद 249 आनी अनुच्छेद 250 हातूंत उपबंध केला ते भायर, जांचे विशीं संसदेक राज्यां खातीर कायदे करपाचो अधिकार ना अशांतल्या खंयच्याय बाबींचें अश्या राज्यांनी संसदेन कायद्या वरवीं विनेमन करप हें बरोबर आसा अशें दिसलें, आनी त्या राज्यांच्या विधीमंडळाच्या सगल्या सभाघरांनी त्या आशयाचे थाराव पास केल्या जाल्यार, ते प्रमाणें ते बाबीचें विनेमन करपा खातीर संसदेन अधिनेम पास करप हें विधीसंमत जातलें, आनी हे प्रमाणें पास जाल्लो कसलोय कायदो अश्या राज्यांक आनी तें राज्य ताच्या विधीमंडळाच्या सभाघरान वा दोन सभाघरां आसतीत थंय तातूंतल्या दर एका सभाघरान ताचे उपरांत ते संबंदांत पास केल्ल्या थारावा वरवीं तो कायदो अंगिकृत करतलीं, अशा हेर खंयच्याय राज्याक लागू जातलो.

---

[1] संविधान (एकशें एकावो बदल) अधिनेम, 2016, कलम 5 (16-9-2016 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

(2) संसदेन हे प्रमाणें पास केल्लो खंयचोय अधिनेम, तशेच रितीन पास केल्ल्या वा अंगिकृत केल्ल्या संसदीय अधिनेमा वरवीं निरसीत करूं येता वा बदलूं येता, परंतु जाका तो लागू आसा अश्या खंयच्याय राज्याच्या संदर्भांत तो त्या राज्याच्या विधीमंडळाच्या अधिनेमा वरवीं बदलूंक वा निरसीत करूंक मेळचो ना.

**253. आंतरराष्ट्रीय करारांची अंमलबजावणी करपा खातीर विधीविधान.**—ह्या प्रकरणाच्या पुर्वगामी उपबंधांत कितेंय आसलें तरी, संसदेक हेर खंयच्याय देशा वांगडा वा देशां कडेन जाल्ली कसलीय कबलात, कसलेंय करार वा संकेत वा खंयचेय आंतरराष्ट्रीय परिशदेंत अधिसंघांत वा हेर निकायांत जाल्लो कसलोय निर्णय कार्यान्वीत करपा खातीर भारताच्या संपूर्ण राज्यक्षेत्रा खातीर वा ताच्या खंयच्याय भागा खातीर कसलोय कायदो करपाचो अधिकार आसा.

**254. संसदेन केल्ले कायदे आनी राज्यांच्या विधीमंडळानी केल्ले कायदे हातूंतली विसंगती.**—(1) राज्याच्या विधीमंडळान केल्ल्या कायद्याचो खंयचोय उपबंध जर संसद जो कायदो अधिनेमीत करपाक सक्षम आसा अशा संसदीय कायद्याच्या खंयच्याय उपबंधांक वा समवर्ती वळेरेंत नमूद केल्ल्यां भितरले कसलेय बाबी संबंदीं अस्तित्वांत आशिल्ल्या खंयच्याय कायद्याचो खंयच्याय उपबंधांक प्रतिकूल आसत जाल्यार, संसदेन केल्लो कायदो - मागीर तो अश्या राज्याच्या विधीमंडळान केल्ल्या कायद्याच्या पयलीं पास जाल्लो आसूं वा मागीर जाल्लो आसूं - वा अस्तित्वांत आशिल्लो कायदो, जशें आसा तशें, पोटकलम (2)च्या उपबंधांचे अधीनतायेन, चड परिणामक थारतलो आनी राज्याच्या विधीमंडळान केल्लो कायदो प्रतिकूलतायेचे व्याप्ते पुरतो शून्य जातलो.

(2) [1]*** राज्याच्या विधीमंडळान समवर्ती वळेरेंत नमूद केल्ले आशिल्ले खंयचेय बाबी संबंदांत केल्ल्या कायद्यांत, ते बाबी संबंदीं संसदेन पयलीं केल्ल्या कायद्यांतल्या वा विद्यमान कायद्यांतल्या उपबंधांक प्रतिकूल असो कसलोय उपबंध आसपावीत आसत ते संबंदांत, अश्या राज्याच्या विधीमंडळान हे प्रमाणें केल्लो कायदो, जर तो राष्ट्रपतीच्या विचारा खातीर राखून दवरून ताका ताची मान्यताय मेळ्ळ्या आसत जाल्यार, त्या राज्यांत चड प्रभावी थारतलो:

ताका शर्त अशी कीं, राज्याच्या विधीमंडळान हे प्रमाणें केल्ल्या कायद्यांत भर घालपी, तातूंत बदल करपी वा ताचें निरसन करपी कायद्या सयत, तेच बाबी संबंदीं कसलोय कायदो खंयच्याय वेळार अधिनेमीत करपाक ह्या पोटकलमांतले खंयचेच बाबीक लागून संसदेक आडकाठी जावची ना.

**255. शिफारशी आनी पूर्वमंजुरी हे संबंदींच्यो गरजो ह्यो फकत कार्यपद्धतीच्यो बाबी मानप.**—संसदेच्यान वा [1]*** राज्याच्या विधीमंडळाच्या खंयच्याय अधिनेमाक—

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची वरवीं (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) "पयले अनुसुचीच्या भाग (क) वा भाग (ख) हातूंत निर्दिश्ट" हीं उतरां आनी अक्षरां काडलीं.

(क) राज्यपालाची शिफारस गरजेची आशिल्ल्याच्या संबंदांत, राज्यपालान वा राष्ट्रपतीन;

(ख) राजप्रमुखाची शिफारस गरजेची आशिल्ल्याच्या संबंदांत, राजप्रमुखान वा राष्ट्रपतीन;

(ग) राष्ट्रपतीची शिफारस वा पूर्वमंजुरी गरजेची आशिल्ल्याच्या संबंदांत, राष्ट्रपतीन,

अनुमती दिल्या आसत जाल्यार, ह्या संविधानान गरजेचें केलां आसत ते प्रमाणें तशी शिफारस करूंक नाशिल्ली वा पूर्वमंजुरी दिवंक नाशिल्ली इतल्याच कारणाक लागून असो कसलोच अधिनेम आनी अशा खंयच्याच अधिनेमांतलो उपबंध कायद्या भायलो थारचो ना.

## प्रकरण II.—प्रशासनीक संबंद

*सर्वसादारण*

**256. राज्यां आनी संघराज्य हांची लागणूक.**—दर एका राज्याचे शासनाधिकार अशे तरेन वापरतले कीं, ताचे वरवीं, संसदेन केल्ल्या कायद्यांचें आनी त्या राज्यांत जे लागू आसतले अशा कसल्याय विद्यमान कायद्यांचें पालन सुनिश्चीत जातलें, आनी त्या प्रयोजना खातीर भारत सरकाराक गरजेचे दिसतीत अशे निदेश राज्याक दिवप हें संघराज्याच्या शासनाधिकाराचे व्याप्तेंत येतलें:

**257. विशिश्ट बाबींनी संघराज्याचें राज्यांचेर नियंत्रण.**—(1) दर एका राज्याचो शासनाधिकार अशे तरेन वापरतले की, ताका लागून संघराज्याच्या शासनाधिकाराच्या वापराक आडखळ वा बाधा येवची ना, आनी त्या प्रयोजना खातीर भारत सरकाराक गरजेचे दिसतीत अशे निदेश राज्याक दिवप हें सध्याच्या शासनाधिकाराचे व्याप्तेंत येतलें.

(2) खंयच्याय राज्याक निदेश दिवन तातूंत राष्ट्रीय वा लश्करी नदरेन म्हत्वाचीं म्हूण घोशीत केल्ल्या दळणवळण साधनांची उबारणी आनी देखभाल हांचे संबंदीं ते वरवीं निदेशन करप हेंय संघराज्याच्या शासनाधिकाराचे व्याप्तेंत येतलें:

ताका शर्त अशी कीं, म्हामार्ग वा जलमार्ग हे राष्ट्रीय म्हामार्ग वा राष्ट्रीय जलमार्ग म्हूण घोशीत करपाच्या संसदेच्या अधिकाराक वा हे प्रमाणें घोशीत केल्ल्या म्हामार्गाच्या वा जलमार्गाच्या संबंदांतल्या संघराज्याच्या अधिकाराक वा नौदलीय, भूदलीय वा वायुदलीय बांदकामा संबंदींच्या आपणाल्या कार्याचो भाग म्हूण दळणवळण–.साधनां उबारपाच्या आनी ताची देखरेख करपाच्या संघराज्याच्या अधिकाराक ह्या पोटकलमांतली खंयचीच बाब निर्बंधीत आसा अशें मानचे नात.

(3) खंयच्याय राज्यांतल्या रेल्वे मार्गांचे राखणे खातीर येवजुपाच्या उपायां संबंदीं त्या राज्याक निदेश दिवप हेंय संघराज्याच्या शासनाधिकाराचे व्याप्तेंत येतलें.

(4) कसल्याय दळणवळण साधनांची उबारणी वा देखभाल हांचे संबंदीं पोटकलम (2) खाला वा खंयच्याय रेल्वेमार्गाचे राखणे खातीर येवजुपाच्या उपायां संबंदीं पोटकलम (3) खाला राज्याक दिल्ल्या कसल्याय निदेशाची अंमलबजावणी करतना, असो निदेश दिवंक नाशिल्लो जाल्यार राज्याक आपणालीं सदांचीं कर्तव्यां निभायतना जितलो खर्च येतलो आशिल्लो ताचे परस चड खर्च आयिल्लो आसत जाल्यार ते संबंदांत, हे प्रमाणें राज्याक आयिल्ल्या चड खर्चा संबंदांत एकमतान थारत वा एकमत जालें ना जाल्यार भारताच्या मुख्य न्यायमुर्ती कडल्यान नेमणूक जाल्ल्या लवादां कडल्यान निर्धारीत जातली अशी रक्कम भारत सरकारा कडल्यान राज्याक मेळटली.

[1][**257क.** [*संघराज्याच्या सशस्त्र दळांक वा हेर दळांच्या अभिनियोजना वरवीं राज्यांक मजत*.].—*संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम*, 1978, *कलम* 33 (20-6-1979 *हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें*.]

**258. विशिश्ट बाबींनी राज्यांक अधिकार बी प्रदान करपाचो संघराज्याचो अधिकार.**—(1) ह्या संविधानांत कितेंय आसलें तरी, राष्ट्रपतीच्यान, संघराज्याच्या शासनाधिकाराचे व्याप्तेंत येत अशे कसलेय बाबी संबंदींचीं कार्यां राज्य सरकाराचे संमतेन त्या सरकारा कडेन वा ताच्या अधिकाऱ्यां कडेन अटीं सयत वा अटीं बगर दिवं येतात.

(2) खंयच्याय राज्यांत जो लागू आसा अश्या संसदेन केल्ल्या कायद्याच्यान, राज्य विधीमंडळाक जे बाबी संबंदीं कायदो करपाचो अधिकार ना तिचे कडेन संबंदीत आसलो तरी ते वरवीं त्या राज्याक वा ताच्या अधिकाऱ्यांक आनी प्राधिकरणांक अधिकार प्रदान करूं येतात, वा अधिकार प्रदान करूंक आनी कर्तव्यां नेमून दिवपाक प्राधिकृत करूं येत.

(3) जंय ह्या अनुच्छेदाच्या आदारान राज्याक वा ताच्या अधिकाऱ्यांक वा प्राधिकरणांक अधिकार प्रदान केल्ले आसतीत वा तांकां कर्तव्यां दिल्लीं आसतीत थंय, राज्याक त्या अधिकारांचे वा कर्तव्यांचे बजावणे संबंदांत येवपी चड प्रशासकी खर्चाच्या संबंदांत, एकमतान थारत वा एकमत जालें ना जाल्यार भारताच्या मुख्य न्यायमुर्तीन नियुक्त केल्ल्या लवादा वरवीं निर्धारीत जातली अशी रक्कम भारत सरकारा कडल्यान राज्य सरकाराक मेळटली.

[2][**258क. संघराज्या कडेन कार्यां सुपूर्द करपाचो राज्यांचो अधिकार.**—ह्या संविधानांत कितेंय आसलें तरी, खंयच्याय राज्याच्या राज्यपालाच्यान राज्याच्या शासनाधिकाराचे व्याप्तेंत येता आसत अशे कसलेय बाबी संबंदांतलीं कार्यां, भारत सरकाराचे संमतेन त्या सरकारा कडेन वा ताच्या अधिकाऱ्या कडेन अटीं सयत वा अटीं बगर सुपूर्द करूं येतात.]

[**259.** *पयले अनुसुचीच्या भाग (ख) हातूंतलीं राज्यांचीं सशस्त्र दळां*.].— *संविधान (सातवो बदल) अधिनेम*, 1956, *कलम* 29 *आनी अनुसुची* (*1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें*.

**260. भारता भायल्या राज्यक्षेत्रां संबंदीं संघराज्याची अधिकारिताय.**—भारत सरकाराक भारताच्या राज्यक्षेत्राचो भाग नाशिल्ल्या खंयच्याय राज्यक्षेत्राच्या सरकारा वांगडा करार करून ताचे वरवीं अश्या राज्य सरकाराचे ठांय निहीत आशिल्लीं कसलींय शासकीय, वैधानीक वा न्यायीक कार्यां पत्करूंक मेळटलीं, पूण असो दर एक करार विदेश विशयक अधिकारितायेच्या वापरा संबंदीं त्या-त्या काळांत अस्तित्वांत आशिल्ल्या खंयच्याय कायद्याचे अधीनतायेंत आसतलीं आनी ताचे वरवीं नियंत्रीत जातलीं.

---

[1] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 43 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[2] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 18 (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

**261. अधिशासकी कृती, अभिलेख आनी न्यायीक कार्यवाही.**—(1) संघराज्याच्यो आनी दर एका राज्याच्यो अधिशासकी कृती, अभिलेख आनी न्यायीक कार्यवाही हांकां भारताच्या राज्यक्षेत्रांत सगले कडेन संपूर्ण विश्वासपात्रताय आनी प्रामाण्य दितले.

(2) पोटकलम (1) हातूंत निदेशिल्ल्यो कृती, अभिलेख आनी कार्यवाही कशे रितीन आनी कसल्या अटींचेर शाबीत करच्यो आनी तांचो परिणाम कसो थारावचो ह्यो बाबी संसदेन केल्ल्या कायद्या वरवीं उपबंध केल्यात ते प्रमाणें थारतल्यो.

(3) भारताच्या राज्यक्षेत्राच्या खंयच्याय भागांतल्या नागरी न्यायालयांनी दिल्ले निमाणे न्यायनिर्णय वा दिल्ले आदेश त्या राज्यक्षेत्रांत खंयूय कायद्या प्रमाणें बजावणी करपाक योग्य आसतले.

*उदका संबंदींचीं किजिलां*

**262. आंतरराज्य न्हंयांच्या, वा न्हंयां-घांटांच्या उदका संबंदींच्या किजिलांचो अभिनिर्णय.**—(1) संसदेच्यान कायद्या वरवीं खंयचेय आंतरराज्य न्हंयेच्या वा न्हंयां-घांटांच्या उदकाचो वापर, वांटप वा ताचे वयलें नियंत्रण हे संबंदींच्या कसल्याय किजिलाच्या वा कागाळेच्या अभिनिर्णया खातीर उपबंध करूं येता.

(2) ह्या संविधानांत कितेंय आसलें तरी, संसदेच्यान कायद्या वरवीं पोटकलम (1) हातूंत निदेशिल्ल्या अश्या कसल्याय किजिलाच्या वा कागाळीच्या संबंदांत सर्वोच्च न्यायालयाक वा हेर खंयच्याय न्यायालयाक अधिकारिताय वापरूंक मेळची ना अशे उपबंध करूं येता.

*राज्या राज्यां मदलो समन्वय*

**263. आंतरराज्य परिशदे संबंदीं उपबंध.**—खंयच्याय वेळार सकयल दिल्ल्या कर्तव्यां खातीर एक परिशद स्थापून भौशीक हीत साध्य जाता अशें राष्ट्रपतीक दिसत जाल्यार—

(क) राज्या राज्यां मदीं किजिलां उप्रासल्यां आसतीत तांचे विशीं चवकशी करप आनी तांचेर सल्लो दिवप;

(ख) राज्यां मदल्या सगल्यांचो वा विशिश्ट वा संघराज्य आनी एक वा चड राज्यां हांचो जातूंत समाजीक हितसंबंद आसा अशा विशयां संबंदीं सोद-तपास करप आनी चर्चा करप; वा

(ग) अशा कसल्याय विशयाचेर शिफारशी आनी, विशेशतायेन, त्या विशया संबंदींचें धोरण आनी कारवाय हांचो चड बरे तरेन समन्वय सादपा खातीर शिफारशी करप,

हें काम सुपूर्द करपा सारकिले एके परिशदेची स्थापना केल्यार लोकहीत सादतलें अशें केन्नाय राष्ट्रपतीक दिसलें जाल्यार, राष्ट्रपतीन आदेशा वरवीं अशी परिशद स्थापन करप आनी तिणें करपाच्या कर्तव्यांचें स्वरूप तशेंच तिची रचणूक आनी कार्यपद्दत निश्चीत करप हें विधीसंमत जातलें.

# भाग XII

# वित्तवेवस्था, संपत्ती, संविदा आनी दावे

## प्रकरण I.—वित्तवेवस्था

*सर्वसादारण*

[1][**264. अर्थावणी.**—ह्या भागांत "वित्त आयोग" हाचो अर्थ, अनुच्छेद 280 खाला घडयिल्लो वित्त आयोग असो आसा.]

**265. कायद्यान प्राधिकार दिले बगर कर लावप ना.**—कायद्यान प्राधिकार दिले बगर कसलोच कर लावचे नात वा वसुली करचे नात.

**266. भारताचे आनी राज्यांचे एकवटीत निधी आनी लोकलेखे.**—(1) अनुच्छेद 267च्या उपबंधांचे अधीनतायेन आनी विशिश्ट कर आनी शुल्कां हांची निव्वळ येणावळ पुरायेन वा अंशतायेन राज्यांक नेमून दिवपा संबंदीं ह्या प्रकरणांत आशिल्ल्या उपबंधांचे अधीनतायेन, भारत सरकाराक मेळिल्लो सगलो म्हासूल, त्या सरकारान कोशागार विपत्रां, रिणां आनी रिणांचे परतफेडी खातीर त्या सरकाराक मेळिल्लो सगलो दुडू मेळून "भारताचो एकवटीत निधी" ह्या नांवाचो एक एकवटीत निधी तयार जातलो, आनी राज्य सरकाराक मेळिल्लो सगलो म्हासूल, त्या सरकारान कोशागार विपत्रां, रिणां तशेंच अर्थोपाय अग्रिमां काडून उबीं केल्लीं सगलीं रिणां आनी रिणांचे परतफेडी खातीर त्या सरकाराक मेळिल्लो सगलो दुडू मेळून "राज्याचो एकवटीत निधी" ह्या नांवाचो एक एकवटीत निधी तयार जातलो.

(2) भारत सरकारान वा राज्य सरकारान वा ताचे वतीन स्विकारिल्लो हेर सगलो भौशीक दुडू, जशें आसत तशें, भारताच्या लोकलेख्यांच्या वा राज्याच्या लोकलेख्यांत जमा खात्यांत घालतले.

(3) भारताच्या एकवटीत निधींतल्या वा राज्याच्या एकवटीत निधींतल्या कसल्याय दुडवांचें विनियोजन, तें कायद्याक धरून आसले बगर आनी ह्या संविधानांत उपबंधीत केल्ल्या प्रयोजना खातीर आनी तशेच तरेचें आसले बगर करचे नात.

**267. आकस्मीकताय निधी.**—(1) संसदेच्यान कायद्या वरवीं अग्रधनाच्या स्वरुपांत "भारताचो आकस्मीकताय निधी" ह्या नांवाचो एक आकस्मीकताय निधी स्थापन करूं येता आनी अशा कायद्या वरवीं निर्धारीत करतले अशो रकमो तातूंत त्या-त्या वेळार भरतले, आनी अनपेक्षीत खर्च भागोवपा खातीर, अनुच्छेद 115 वा अनुच्छेद 116 खाला संसदे कडल्यान कायद्या वरवीं असो खर्च प्राधिकृत जायसर अशा निधींतल्यान अग्रिमां दिवप राष्ट्रपतीक शक्य जावचें हे खातीर वयलो निधी ताचे सेवेक आसतलो.

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956 कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 264 हे सुवातेर घालें.

(2) राज्य विधीमंडळाच्यान कायद्या वरवीं अग्रधनाच्या स्वरुपांत "राज्याचो आकस्मीकताय निधी" ह्या नांवाचो एक आकस्मीकताय निधी स्थापन करूं येता आनी अशा कायद्या वरवीं निर्धारीत करतले अश्यो रकमो त्या-त्या वेळार तातूंत भरतले, आनी अनपेक्षीत खर्च भागोवपा खातीर अनुच्छेद 205 वा अनुच्छेद 206 खाला राज्य विधीमंडळा कडल्यान कायद्या वरवीं असो खर्च प्राधिकृत जायसर अशा निधींतल्यान अग्रिमां दिवप राज्यपालाक शक्य जावचें म्हूण वयलो निधी राज्याच्या राज्यपालाचे [1]*** सेवेक आसतलो.

*संघराज्य आनी राज्यां हांचे भितर म्हासुलाचें वितरण*

**268. संघराज्यान लादिल्लीं पूण राज्यांनी जमा केल्लीं आनी विनियोजीत केल्लीं शुल्कां.**—(1) संघराज्य वळेरेंत नामनिर्देश केल्लीं असलीं मुद्रांक शुल्कां [2]*** भारत सरकार लायतलें, पूण तीं वसूल करप—

(क) अशीं शुल्कां [3][खंयच्याय केंद्रशासीत प्रदेश] लावपा सारकिलीं आसतीत ते संबंदांत, भारत सरकार करतलें, आनी

(ख) हेर संबंदांनी, अशीं शुल्कां ज्या राज्यां भितर लावपा सारकीं आसतलीं ते संबदीं तीं राज्यां करतलीं.

(2) अशें जें कसलेंय शुल्क खंयच्याय राज्यांत लावपा सारकें आसतलें ताची खंयच्याय वित्तीय वर्सांतली येणावळ भारताच्या एकवटीत निधीचो भाग जावची ना, जाल्यार ती राज्याक नेमून दितले.

[4]**268क.** [*संघराज्यान लादिल्लो आनी संघराज्य तशेंच राज्यांनी वसूल करून विनियोजीत केल्लो सेवा कर.]*—*संविधान (एकशें एकावो बदल) अधिनेम*, 2016, *कलम 7* (16-09-2016 *हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें.*

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "वा राजप्रमूख" हीं उतरां काडलीं.

[2] संविधान (एकशें एकावो बदल) अधिनेम, 2016, कलम 6 (16-9-2016 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "आनी अशीं वखदां आनी प्रसाधन जिनसां वयलीं उत्पादन- शुल्कां" हीं उतरां काडलीं.

[3] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पयले अनुसुचीच्या भाग (ग) हातूंत विनिर्दिश्ट राज्य" हे सुवातेर घालें.

[4] संविधान (अठ्यांयश्यांवो बदल) अधिनेम, 2003, कलम 2 (तारीख अधिसुचीत करूंक ना) वरवीं निविश्ट केलें.

**269. संघराज्यान लायिल्ले आनी वसूल केल्ले पूण राज्यांक नेमून दिल्ले कर.**—[1][(1) म्हालाचे धाडणेचेर कर आनी विक्रेचेर कर वा म्हालाचे खरेदेचेर कर [2][सोडून अनुच्छेद 269क त उपबंध केल्लें] भारत सरकार घालतलें आनी पुंजायतलें, पूण पोटकलम (2) हातूंत उपबंधांत केल्ले रितीन 1 एप्रील 1996 दिसा वा ते उपरांत तीं राज्यांक नेमून दिल्यांत अशें धरतले.

*फोडणिशी.*—ह्या पोटकलमाच्या उपबंधां खातीर,—

(क) खबरेपत्रां परस वेगळ्या म्हालाची विक्री वा खरेदी जंय आंतरराज्य वेपार वा वाणिज्य वेव्हार हांच्या ओगांत घडटा थंय, अशी "म्हालाची विक्री वा खरेदी हांचे वयलो कर";

(ख) आंतरराज्य वेपार वा वाणिज्य वेव्हार हांच्या ओगांत म्हालाचें धाडप जालां आसत जाल्यार, अशा "म्हालाचे धाडणे वयलो कर" (मागीर असो म्हाल तो धाडपी व्यक्ती कडेनूच धाडिल्लो आसूं वा हेर खंयचेय व्यक्ती कडेन धाडिल्लो आसूं).

(2) अशा कसल्याय शुल्काची वा कराची खंयच्याय वित्तीय वर्सांतली निव्वळ येणावळ ही, केंद्रशासीत प्रदेश कडेन संबंदनीय अशी येणावळ दाखोवपी आसत तितली मर्यादा कडेक काडून, ती भारताच्या एकवटीत निधीचो भाग जावचो ना, तर ती येणावळ ज्या राज्यांत त्या वर्सा तें शुल्क वा तो कर लावपा सारको आसत तांकां नेमून दितले, आनी संसद कायद्या वरवीं सुत्रबद्ध करतली अश्या वितरण तत्वां प्रमाणें ती त्या राज्यांत वितरीत करतले.]

[3][(3) संसदेच्यान कायद्या वरवीं [4][म्हालाची विक्री वा खरेदी वा ताची धाडणी हीं] केन्ना राज्यीय वेपार वा वाणिज्य वेव्हार हांच्या ओगांत घडटा हें थारावपा खातीर तत्वां सुत्रबद्ध करूं येतात.]

[5][**269क. आंतरराज्य वेपार वा वाणिज्य हांचेर म्हाल आनी सेवा कर लागू आनी वसुली.**—(1) भारत सरकार आंतरराज्य वेपार वा वाणिज्य हांचे मजगतीं लागू केल्ले म्हाल आनी सेवा कर लादतलें आनी वसूल करतलें आनी म्हाल आनी सेवा कर परिशदेच्या शिफारशींचेर आदारून संसदेन सांगिल्ले पद्दतीन, केंद्र आनी राज्यां हांचे मदीं समवांटणी करतले.

---

[1] संविधान (अंयश्यांवो बदल) अधिनेम, 2000, कलम 2 (9-6-2000 हे तारखे सावन लागू) वरवीं पोटकलम (1) आनी (2) हे सुवातेर घालें.

[2] संविधान (एकशें एकावो बदल) अधिनेम, 2016, कलम 8 (16-9-2016 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[3] संविधान (सवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 3 (11-9-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[4] संविधान (शेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1982, कलम 2 (2-2-1983 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "म्हालाची खरेदी वा विक्री" हे सुवातेर घालें.

[5] संविधान (एकशें एकावो बदल) अधिनेम, 2016, कलम 9 (16-9-2016 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

*फोडणिशी.*—ह्या पोटकलमाच्या प्रयोजना खातीर भारताच्या प्रदेशांत आयातीच्या ओगांत म्हालाची, वा सेवांची पुरवण, वा दोनूय, हांकां आंतरराज्य वेपार आनी वाणिज्य हांच्या भारताच्या प्रदेशांत आयातीच्या ओगांत म्हालाची, वा सेवांची, वा दोनांचीय पुरवण मानतले.

(2) पोटकलम (1) खाला खंयच्याय राज्याक समवांटणेंत मेळिल्ली रक्कम ही भारताच्या एकवटीत निधीचो वांटो जावची ना.

(3) जंय पोटकलम (1) खाला लादिल्ल्या कराच्या रुपान जमयिल्ली रक्कम, खंयच्याय राज्यान अनुच्छेद 246क खाला लादिल्ले कर फारीक करूंक वापरल्यार, ती रक्कम भारताच्या एकवटीत निधीचो वांटो जावची ना.

(4) जंय खंयच्याय राज्यान अनुच्छेद 246क खाला लादिल्ल्या कराची जमयिल्ली रक्कम पोटकलम (1) खाला लादिल्ल्या कराचे फारीकसाणीक वापरतले, ती रक्कम त्या राज्याच्या एकवटीत निधीचो वांटो जावची ना.

(5) संसद, कायद्या वरवीं, आंतरराज्य वेपार आनी वाणिज्याच्या ओगांत म्हालाचे पुरवणेचो जागो थारावंक, आनी म्हाल, वा सेवा, वा दोनांचीय पुरवण केन्ना जावची हाचीं तत्त्वां सुत्रबद्ध करूं शकता.]

[1][**270. संघराज्य आनी राज्यां मदीं लायिल्लो आनी वितरीत केल्लो कर.**—(1) अनुक्रमान, [2][अनुच्छेद 268, 269 आनी 269क] हातूंत विनिर्दिश्ट केल्लीं शुल्कां आनी कर हे सोडून, संघराज्य वळेरेंत विनिर्दिश्ट केल्ले सगले कर आनी शुल्कां, अनुच्छेद 271 हातूंत विनिर्दिश्ट केल्लो कर आनी शुल्कां हांचे वयलो अधिभार आनी संसदेन केल्ल्या खंयच्याय कायद्या खाला विशिश्ट प्रयोजनां खातीर आकारिल्लो खंयचोय उप-कर हांची, भारत सरकारा कडल्यान आकारणी आनी वसुली, करतले आनी पोटकलम (2) हातूंत उपबंध केल्ले रितीन ते संघराज्य आनी राज्यां मदीं वितरीत करतले.

[3][(1क) अनुच्छेद 246क च्या पोटकलम (1) खाला संघराज्यान वसूल केल्लो कर लेगीत, पोटकलम (2) हातूंत उपबंध केल्ले रितीन संघराज्य आनी राज्यां मदीं वितरीत करतले.

(1ख) अनुच्छेद 246क च्या पोटकलम (1) खाला संघराज्यान आकारिल्ल्या कराची फारीकणी करूंक जाचो वापर केला अशे, अनुच्छेद 246क च्या पोटकलम (2) आनी अनुच्छेद 269क हांचे खाला, संघराज्यान आकारिल्लो आनी वसूल केल्लो कर, आनी अनुच्छेद 269क च्या पोटकलम (1) खाला संघराज्याक संविभाजीत केल्ली रक्कम लेगीत, पोटकलम (2) हातूंत उपबंध केल्ले रितीन संघराज्य आनी राज्यां मदीं वितरीत करतले.]

---

[1] संविधान (अंयश्यांवो बदल) अधिनेम, 2000, कलम 3 (1-4-1996 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 270 हे सुवातेर घालें.

[2] संविधान (अठ्यांयश्यांवो बदल) अधिनेम, 2003, कलम 3 (लागू करूंक ना) वरवीं "अनुच्छेद 268 आनी 269" हे सुवातेर घालें आनी उपरांत संविधान (एकशें एकावो बदल) अधिनेम, 2016, कलम 10 (16-9-2016 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "अनुच्छेद 268, 268क आनी 269" हे सुवातेर घालें.

[3] कित्तो- कलम 10 (16-9-2016 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

(2) अशा कसल्याय कराच्या खंयच्याय वित्तीय वर्साचे निव्वळ येणावळीची विहीत करतले अशी टक्केवारी ही केंद्रशासीत प्रदेशां कडेन वा संघीय परिलाभा संबंदीं दिवपाच्या करां कडेन संबंदनीय अशी येणावळ दाखोवपी आसत तितली मर्यादा कडेक काडून, ती भारताच्या एकवटीत निधीचो भाग जावची ना, तर ती टक्केवारी ज्या राज्यांनी त्या वर्सा तो कर लावपा सारको आसत तांकां नेमून दितले, आनी पोटकलम (3) हातूंत उपबंधीत केल्ले रितीन विहीत करतले आनी अशा वेळा सावन त्या राज्यां मदीं वितरीत करतले.

(3) ह्या अनुच्छेदांत "विहीत" हाचो अर्थ,—

(i) वित्त आयोगाची घडण जायसर राष्ट्रपतीन आदेशा वरवीं विहीत केल्ले, आनी

(ii) वित्त आयोग घडयले उपरांत राष्ट्रपतीन वित्त आयोगाच्या शिफारशींचो विचार करून आदेशा वरवीं विहीत केल्ले.]

**271. संघराज्याच्या प्रयोजनां खातीर विशिश्ट शुल्कां आनी करांचेर अधिभार.—**अनुच्छेद 269 आनी 270 हातूंत कितेंय आसलें जाल्यारूय, संसदेच्यान, त्या अनुच्छेदांनी उल्लेख आशिल्लीं शुल्कां वा कर [1][अनुच्छेद 246क खाला आशिल्लो म्हाल आनी सेवा कर हाचो आडवाद करून] खंयच्याय वेळार संघराज्याच्या उद्दिश्टां पासत कसल्याय अधिभारा वरवीं वाडोवं येतात आनी अशा खंयच्याय अधिभाराचें पूर्ण उत्पन्न भारताच्या एकवटीत निधीचो वांटो जातलो.

[**272.** *संघराज्यान जे कर लायिल्ले आनी वसूल केल्ले कर संघराज्य आनी राज्यां हांचे मदीं वितरावं येतात.*].—*संविधान (अंयश्यांवो बदल) अधिनेम,* 2000, *कलम* 4 (9-6-2000 *हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें.*

**273. ताग आनी तागोत्पादीत म्हाल हांचे वयल्या निर्यात-शुल्कांचे सुवातेर अनुदानां.—**(1) ताग आनी तागोत्पादीत म्हाल हांचे वयल्या निर्यात-शुल्काच्या दर एका वर्सांतले निव्वळ येणावळीचो खंयचोय वांटो आसाम, बिहार, [2][ओडिशा] आनी पश्चीम बंगाल ह्या राज्यांक नेमून दिवपाचे सुवातेर, त्या राज्यांच्या म्हासुलाक सहाय्यक अनुदानां म्हूण विहीत करतले अश्यो रकमो भारताच्या एकवटीत निधीचेर दर वर्सा प्रभारीत करतले.

(2) हे प्रमाणें विहीत केल्ल्यो रकमो ह्यो ताग आनी तागोत्पादीत म्हाल हांचेर भारत सरकार कसलेंय निर्यात-शुल्क बसोवपाचें जितलो काळ चालू दवरीत तितलो काळ वा ह्या संविधानाच्या आरंभा सावन धा वर्सांचो काळ हांचे भितरलो जो पयलीं सोंपतलो त्या कालावधी मेरेन भारताच्या एकवटीत निधीचेर प्रभारीत करपाचें चालू उरतलें.

---

[1] संविधान (एकशें एकावो बदल) अधिनेम, 2016, कलम 11 (16-9-2016 हे तारखे सावन लागू ) वरवीं निविश्ट केलें.

[2] ओडिशा (नांवांत फेरबदल) अधिनेम, 2011 (2011चो 15वो), कलम 5 (1-11-2011 हे तारखे सावन लागू ) वरवीं "ओरिसा" हे सुवातेर घालें.

(3) ह्या अनुच्छेदांत “विहीत” ह्या उतराक अनुच्छेद 270त आशिल्लोच अर्थ आसा.

**274. राज्यां, जातूंत हितसंबंदीत आसात अश्या कर लावपाचेर परिणाम करपी विधेयकांक राष्ट्रपतीची पूर्व शिफारस गरजेची.**—(1) राज्यां जातूंत हितसंबंदीत आसात असो कसलोय कर वा कसलेंय शुल्क वा तातूंत बदल करपी वा भारतीय प्राप्तीकरा संबंदींच्या अधिनियमितींच्या प्रयोजना खातीर जशी व्याख्या केल्या तशो “कृषि- प्राप्ती” ह्या उतरांच्या अर्थांत बदल करपी वा ह्या प्रकरणाच्या पुर्वगामी उपबंधां मदल्या खंयच्याय उपबंधा खाला राज्यांक ज्या तत्त्वांचेर दुडू वितरीत करूंक मेळटा वा मेळटलो तांचेर परिणाम करपी वा ह्या प्रकरणाच्या पुर्वगामी उपबंधांत उल्लेखिल्लो असो कसलोय अधिभार संघराज्याच्या प्रयोजना खातीर लावपी अशें खंयचेंय विधेयक वा असो बदल राष्ट्रपतीची शिफारस आसले बगर संसदेच्या खंयच्याच सभाघरांत प्रस्तूत करचे नात वा मांडचे नात.

(2) ह्या अनुच्छेदांत “राज्यां जातूंत हितसंबंदीत आसात असो कर वा अशें शुल्क” ह्या उतरांचो अर्थ असो—

(क) जांची निव्वळ येणावळ पुरायेन वा अंशतायेन खंयच्याय राज्याक नेमून दितात असो कर वा शुल्क; वा

(ख) जाचे निव्वळ येणावळीच्या संदर्भांत खंयच्याय राज्याक भारताच्या एकवटीत निधींतल्यान त्या-त्या वेळार रकमो प्रदेय आसतीत असो कर वा शुल्क.

**275. विशिश्ट राज्यांक संघराज्या कडल्यान अनुदानां.**—(1) संसद कायद्या वरवीं उपबंध करतली अश्यो रकमो जांकां सहाय्याची गरज आसा अशें संसद थारायतली अशा राज्यांच्या म्हासुलाक सहाय्यक अनुदानां म्हूण दर वर्सा भारताच्या एकवटीत निधीचेर प्रभारीत करतली, आनी वेगळ्या-वेगळ्या राज्यां खातीर वेगळ्यो वेगळ्यो रकमो निश्चीत करूं येतात:

ताका शर्त अशी कीं, खंयच्याय राज्यांतले अनुसुचीत जातींचे कल्याणवृद्धी खातीर वा त्या राज्यांतल्या अनुसुचीत क्षेत्रांचो प्रशासन पांवडो त्या राज्याच्या उरिल्ल्या क्षेत्रांच्या प्रशासन – पांवड्या इतलो उंचावपा खातीर तें राज्य भारत सरकाराचे मान्यतायेन हातांत घेतलें अश्या विकास येवजण्यांचो खर्च भागोवप राज्याक जमचें हे खातीर, गरजेच्यो आसतल्यो अश्यो भांडवली रकमो आनी आवर्ती रकमो त्या राज्याच्या म्हासुलाक सहाय्यक अनुदानां म्हूण भारताच्या एकवटीत निधींतल्यान दितले:

ताका आनीक शर्त अशी कीं, आसाम राज्याच्या म्हासुलाक सहाय्यक अनुदानां म्हूण—

(क) सवे अनुसुचीच्या 20व्या परिच्छेदाक जोडिल्ल्या तकट्याचो [1][भाग I] हातूंत विनिर्दिश्ट केल्ल्या आदिवासी क्षेत्रांच्या प्रशासना विशीं ह्या संविधानाच्या आरंभाचे निकटपुर्वींच्या दोन वर्सांतल्या म्हासुला परस चड जाल्ल्या खर्चाचे सरासरी इतलो; आनी

(ख) त्या राज्यांतलो वयल्या क्षेत्रांचो प्रशासन पांवडो उरिल्ल्या क्षेत्रांच्या प्रशासन पांवड्या इतलो उंचावपाच्या प्रयोजना खातीर तें राज्य भारत सरकाराचे मान्यतायेन हातांत घेतलें अश्या विकास येवजण्यांच्या खर्चा इतल्यो भांडवली आनी आवर्ती रकमो भारताच्या एकवटीत निधींतल्यान दितले.

[2][(1क) अनुच्छेद 244क खाला स्वायत्त राज्य जातलें तेन्ना आनी तेन्नाच्यान,—

(i) पोटकलम (1)च्या परंतुकांतलें पोटकलम (क) खाला दिवपाच्यो कसल्योय रकमो जर स्वायत्त राज्य त्या पोटकलमांत निर्दिश्ट केल्लीं सगलीं आदिवासी क्षेत्रां मेळून जाल्लें आसत जाल्यार स्वायत्त राज्याक दितले, आनी, स्वायत्त राज्य त्या आदिवासी क्षेत्रां भितरल्या थोड्यांचेंच मेळून जाल्लें आसत जाल्यार, राष्ट्रपती आदेशा वरवीं विनिर्दिश्ट करतलो ते प्रमाणें आसाम राज्य आनी स्वायत्त राज्य हांचे मदीं संविभाजीत करतले;

(ii) स्वायत्त राज्याचो प्रशासन पांवडो उरिल्ल्या आसाम राज्याच्या प्रशासन पांवड्या इतलो उंचावपा खातीर स्वायत्त राज्य भारत सरकाराचे मान्यतायेन हातांत घेतलें अश्या विकास येवजण्यांच्या खर्चा इतल्यो भांडवली आनी आवर्ती रकमो त्या राज्याच्या म्हासुलाक सहाय्यक अनुदानां म्हूण भारताच्या एकवटीत निधींतल्यान दितलें.]

(2) संसदे कडल्यान पोटकलम (1) खाला उपबंध करून जाय मेरेन, त्या पोटकलमा खाला संसदेक प्रदान केल्ले अधिकार राष्ट्रपतीक आदेशा वरवीं वापरूंक मेळपा सारके आसतले आनी राष्ट्रपतीन ह्या पोटकलमा खाला केल्लो कसलोय आदेश संसदेन हे प्रमाणें केल्ल्या खंयच्याय उपबंधाचे अधीनतायेन परिणामक जातलो:

ताका शर्त अशी कीं, वित्त आयोगाची घडण जातकूच, वित्त आयोगाच्या शिफारशींचो विचार केल्या बगर, राष्ट्रपतीन ह्या पोटकलमा खाला कसलोच आदेश दिवंक मेळचो ना.

**276. वेवसाय, उदीम, आजिविका आनी नोकऱ्यो हांचे वयलो कर.**—(1) अनुच्छेद 246त कितेंय आसलें तरी, वेवसाय, उदीम, आजिविका वा नोकऱ्यो हांचे विशीं खंयच्याय राज्याच्या वा तातूंतली नगरपालिका, जिल्लो मंडळ, थळावें मंडळ वा हेर थळावें प्राधिकरण हांच्या लाभा खातीर आशिल्ल्या करा संबंदींचो राज्य विधीमंडळाचो खंयचोय कायदो तो प्राप्ती करा कडेन संबंदीत आसा ह्या कारणा वयल्यान विधी भायलो थारचो ना.

---

[1] पुर्वोत्तर वाठार (फेररचणूक) अधिनेम, 1971 (1971चो 81वो), कलम 71 (21-1-1972 हे तारखे सावन लागू) वरवीं “भाग (क)” हे सुवातेर घालें.

[2] संविधान (बाविसावो बदल) अधिनेम, 1969, कलम 3 (25-9-1969 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

(2) वेवसाय, उदीम, आजिविका आनी नोकऱ्यो हांचे वयल्या करांच्या रुपान खंयचेय एके नगरपालिकेक, जिल्लो मंडळाक, थळाव्या मंडळाक, वा हेर थळाव्या प्राधिकरणाक दिवपाची वट्ट रक्कम दर वर्सा [1][दोन हजार पांचशें रुपयां] परस चड आसची ना.

[2]* * * *

(3) वेवसाय, उदीम, आजिविका, आनी नोकऱ्यो हांचे वयल्या करां विशीं वयर सांगलां ते प्रमाणें कायदे करपाचो राज्य विधीमंडळाचो अधिकार हो वेवसाय, उदीम, आजिविका आनी नोकऱ्यो हातूंतल्यान उपार्जीत जावपी वा उप्रासपी प्राप्ते वयल्या करां विशीं कायदो करपी संसदेच्या अधिकाराचेर कसलेय तरेन मर्यादा घालता असो ताचो अर्थ लावचे नात.

**277. आडवाद.**—ह्या संविधानाच्या आरंभाचे निकटपूर्व खंयच्याय राज्याचें सरकार वा, खंयचीय नगरपालिका वा हेर थळावें प्राधिकरण वा निकाय हांचे कडल्यान राज्य, नगरपालिका, जिल्लो वा हेर थळावें क्षेत्र हांच्या प्रयोजना खातीर कायदेशीरपणान लायतले अशे कसलेय कर, शुल्कां, उप-कर वा फी जरी संघराज्य वळेरेंत उल्लेखिल्लीं आसलीं तरीय, ते कर, शुल्कां, उप-कर वा फी हांचें लावप आनी त्या प्रयोजना खातीर जावपी तांचो विनियोग, संसदे कडल्यान कायद्या वरवीं विरुद्ध उपबंध करून जायसर चालू दवरूं येतात.

**278.** [*विशिश्ट वित्तीय विशया वयले, पयले अनुसुचीच्या भाग (ख) हातूंतले राज्या वांगडचे करार.*].—*संविधान (सातवो बदल) अधिनेम,* 1956, *कलम* 29 *आनी अनुसुची* (1-11-1956 *हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें.*

**279. "निव्वळ येणावळ" आदीची परिगणना.**—(1) ह्या प्रकरणाच्या पुर्वगामी उपबंधांनी "निव्वळ येणावळ" हाचो कसल्याय कराच्या वा शुल्काच्या संबंदांतलो अर्थ, वसुलेचो खर्च काडून उरिल्ली येणावळ असो आसा. आनी त्या तरतुदींच्या प्रयोजना खातीर, खंयच्याय क्षेत्रांतली वा ताचे कडेन संबंदीत आशिल्ल्या कसल्याय कराची वा शुल्काची वा कसल्याय कराच्या वा शुल्काच्या भागाची निव्वळ येणावळ, भारताचो नियंत्रक आनी म्हालेखापरिक्षक हांचे कडल्यान विनिश्चीत आनी प्रमाणीत करतले आनी ताचें प्रमाणपत्र निमाणें आसतलें.

(2) वयर सांगलां ते प्रमाणें, आनी ह्या प्रकरणाच्या हेर खंयच्याय उपबंधाचे अधीनतायेन ह्या भागा खाला कसल्याय शुल्काची वा कराची येणावळ खंयच्याय राज्याक नेमून दिल्ली आसत वा दिवं येता अशा खंयच्याय संदर्भांत कशे रितीन परिगणना करची, कसले भरणे खंयच्या वेळा सावन वा खंयच्या वेळार कशे रितीन करपाचे हे संबंदीं, दोन अर्थीक वर्सांच्या दरम्यान समायोजन करपा संबंदीं, संसदीय कायदो वा राष्ट्रपतीचो आदेश हांचे वरवीं उपबंध करूं येता.

---

[1] संविधान (साठावो बदल) अधिनेम, 1988, कलम 2 (20-12-1988 हे तारखे सावन हे तारखे सावन लागू) वरवीं "दोनशें पन्नास रुपया" हे सुवातेर घालें.

[2] कित्तो- कलम 2 (20-12-1988 हे तारखे सावन लागू) वरवीं परंतूक काडलें.

[1][**279क. म्हाल आनी सेवा कर परिशद.**—(1) राष्ट्रपती, संविधान (एकशें एकावो बदल) अधिनेम, 2016च्या आरंभाचे तारखे सावन साठ दिसां भितर, आदेशा वरवीं, जाका म्हाल आनी सेवा कर परिशद म्हणटले, अशी एक परिशद घडयतले.

(2) म्हाल आनी सेवा कर परिशदेंत सकयल उल्लेख केल्ले वांगडी आसतले:—

(क) केंद्रीय वित्त मंत्री-अध्यक्ष;

(ख) म्हासूल वा वित्त हांचो पदभार आशिल्लो राज्यमंत्री-वांगडी;

(ग) दर एका राज्य सरकारान नेमीत केल्लो वित्त वा कर आकारणी मंत्री वा हेर कोणूय मंत्री-वांगडी.

(3) म्हाल आनी सेवा कर परिशदेचे, वयल्या पोटकलम (2)च्या उप-पोटकलम (ग)त उल्लेखीत वांगड्यांनी, जाता तितलें बेगीन, तांचे मदल्या एकल्याक, ते थारायतात तितल्या काळा खातीर, परिशदेचो उपाध्यक्ष म्हूण वेंचून काडचो.

(4) म्हाल आनी सेवा कर परिशद संघराज्याक आनी राज्यांक फुडें नोंद केल्ल्या विशयांचेर शिफारशी करतली—

(क) संघराज्य, राज्यांनी आनी थळाव्यो संस्था हांणीं लायिल्ले खंयचेय कर, उप-कर आनी म्हाल अधिभार जे सेवा करांत आसपावीत जावं येतात;

(ख) म्हाल आनी सेवा कर जांकां लागू करूं येता, वा जांकां तातूंतल्यान सूट दिवंक जाता, अशे म्हाल आनी सेवा;

(ग) म्हाल आनी सेवा कर कायद्यांचे नमुने, कर लावपाचीं तत्त्वां, अनुच्छेद 269क खाला आंतरराज्य वेपार वा वाणिज्याच्या ओगांत पुरवण्यांचेर लायिल्ल्या म्हाल आनी सेवा कराची समवांटणी आनी पुरवणेचे सुवातेचें नेमन करपी तत्वां;

(घ) म्हाल आनी सेवा करांतल्यान, जिचे परस उणी आशिल्ल्या म्हालाक आनी सेवांक सूट दिवं येत ती उलाढालीची मर्यादा;

(ङ) उण्यांत उण्या दरांचो आसपाव केल्ले म्हाल आनी सेवा कर;

(च) कसलेय सैमीक आपत्तींत वा अरिश्टांत अतिरिक्त संसाधनां उबारूंक, थारायिल्ल्या काळा खातीर कसल्योय खाशेल्यो दरो;

---

[1] संविधान (एकशें एकावो बदल) अधिनेम, 2016, कलम 12 (12-9-2016 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

(छ) अरुणाचल प्रदेश, आसाम, जम्मू आनी काश्मीर, मणिपूर, मेघालय, मिझोराम, नागालॅण्ड, सिक्कीम, त्रिपुरा, हिमाचल प्रदेश आनी उत्तराखंड ह्या राज्यां संबंदान खाशेले उपबंध; आनी

(ज) ही परिशद थारायत तो म्हाल आनी सेवा करा संबंदांतलो हेर खंयचोय विशय;

(5) कच्चें पेट्रोलियम, हाय स्पीड डिझल, मोटार स्पिरीट (सर्वसादारणपणान गाझोलीन म्हणटात तें), सैमीक वाय आनी हवाई टर्बायन इंधन हांकां म्हाल आनी सेवा कर लागू करपाचे तारखेची शिफारस ही म्हाल आनी सेवा कर परिशद करतली.

(6) ह्या अनुच्छेदान दिल्ल्या कर्तव्यांक पाळो दितना हे म्हाल आनी सेवा कर परिशदेक म्हाल आनी सेवा कराचे एके सुमेळी रचणुकेची आनी म्हाल आनी सेवां खातीर एक सुमेळी राष्ट्रीय बाजार विकसीत करपाची गरज मार्गदर्शन दिवपी आसतली.

(7) हे म्हाल आनी कर परिशदेच्या बसकांक हे परिशदेच्या वट्ट वांगड्यांतले अर्दान वांगडी ही गणपुर्ती आसतली.

(8) आपलीं कर्तव्यां पाळूंक गरजेची कार्यपद्दत ही म्हाल आनी सेवा कर परिशद निश्चीत करतली.

(9) हे म्हाल आनी कर परिशदेचो दर एक निर्णय हे परिशदेचे खंयचेय बसकेंत, उपस्थीत आनी मतदान करपी वांगड्यांच्या तीन चवथाये परस उणें नाशिल्ल्या भोवमतान हांगा मुखार दिल्ल्या तत्वांक धरून भार आदारीत मतांनी जातलो, तीं तत्वां अशीं:—

(क) ते बसकेंत घाल्ल्या वट्ट मतांनी केंद्र सरकाराच्या मताक एक-तृतियांश वांटो इतलो भार आसतलो; आनी

(ख) सगल्या राज्य सरकारांच्या मेळून जाल्ल्या मतांक वट्ट घाल्ल्या मतांनी ते बसकेंत दोन-तृतियांश वांट्यांचो भार आसतलो.

(10) हे म्हाल आनी कर परिशदेची खंयचीच कृती वा कामकाज फकत ह्या कारणांनी रद्द जावची ना—

(क) हे परिशदेचे निर्मणेंत खंयचीय रिती सुवात वा कसलोय दोश हाका लागून; वा

(ख) हे परिशदेचो एक वांगडी म्हूण एके व्यक्तीची नियुक्ती कसल्याय दोशाक लागून; वा

(ग) ते बाबीचे योग्यतायेचेर कांयच परिणाम करिनासपी, हे परिशदेचे कार्यपद्दतींतलें कसलेंय नेमा भायलें काम.

(11) ही म्हाल आनी सेवा कर परिशद, खंयच्याय तंट्याचेर न्यायनिर्णय घेवपाक आपली यंत्रणा स्थापीत करतले—

(क) भारत सरकार आनी एक राज्य वा चड राज्यां हांचे मदीं; वा

(ख) भारत सरकार आनी खंयचेंय/चींय राज्य/ज्यां एके वटेन आनी दुसरे वटेन एक वा चड हेर राज्यां हांचे मदीं; वा

(ग) दोन वा चड राज्यां मदीं,

परिशदेच्यो शिफारशी वा तांच्या कार्यांतल्यान उप्रासपी कसल्याय तंट्याचेर निर्णय दिवंक एक यंत्रणा स्थापन करतली.]

**280. वित्त आयोग.—**(1) ह्या संविधानाच्या आरंभा सावन दोन वर्सां भितर आनी ते उपरांत दर एक पांचवें वर्स सोंपना फुडें वा राष्ट्रपतीक गरजेचें दिसत ताचे पयलीं, राष्ट्रपती आदेशा वरवीं वित्त आयोग घडयतलो आनी राष्ट्रपती जांची नियुक्ती करतलो असो अध्यक्ष तशेंच हेर चार वांगडी मेळून तो घडिल्लो आसतलो.

(2) आयोगाचे वांगडी म्हूण नियुक्त जावपा खातीर कसल्यो पात्रतायो गरजेच्यो आसतल्यो आनी ते कशे पद्धतीन वेंचतले तें संसदेच्यान कायद्या वरवीं निर्धारीत करूं येता.

(3) फुडल्या बाबीं संबंदांत राष्ट्रपतीक शिफारशी करप हें आयोगाचें कर्तव्य आसतलें, त्यो शिफारशी अश्यो—

(क) ह्या प्रकरणा खाला संघराज्य आनी राज्यां हांचे भितर जे विभागून दिवपाचे आसात वा विभागून दिवं येतात अश्या करांचे निव्वळ येणावळीचें तांचे मदीं वितरण करप आनी राज्यां भितर अशे येणावळींतले तांचे भाग वांटून दिवप;

(ख) भारताच्या एकवटीत निधींतल्यान दिवपाचीं राज्य म्हासुलाक सहाय्यक अशीं अनुदानां जांचे प्रमाणें नियंत्रीत जावचीं तीं तत्वां;

[1][(खख) राज्याच्या वित्त आयोगान केल्ल्या शिफारशींच्या आदारान राज्यांतल्या पंचायतींच्या साधनसंपत्तींक पुरक थारूंक राज्याच्या एकवटीत निधींत वाड करपाची गरज आशिल्ल्यो उपाय येवजण्यो;]

[2][(ग) राज्याच्या वित्त आयोगान केल्ल्या शिफारशींच्या आदारान राज्याच्या नगरपालिकांच्या साधनसंपत्तींक पुरक थारूंक राज्याच्या एकवटीत निधींत वाड करपाची गरज आशिल्ल्यो उपाय येवजण्यो;]

[3][(घ)] वित्तवेवस्था बळिश्ट जावची हे नदरेन राष्ट्रपतीन वित्त आयोगा कडेन निर्देशीत केल्ली हेर खंयचीय बाब.

(4) आयोग आपणाली कार्यपद्दत थारायतलो आनी आपणालीं कार्यां निभायतना ताका संसदे कडल्यान कायद्या वरवीं प्रदान करतले अशे अधिकार आसतले.

---

[1] संविधान (त्र्यात्तरावो बदल) अधिनेम, 1992, कलम 3 (24-4-1993 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[2] संविधान (चवद्यात्तरावो बदल) अधिनेम, 1992, कलम 3 (1-6-1993 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[3] कित्तो- कलम 3 (1-6-1993 हे तारखे सावन लागू) वरवीं उप-पोटकलम (ग) हें उप-पोटकलम (घ) अशें फेरअक्षरीकृत केलें.

**281. वित्त आयोगाच्यो शिफारशी.**—राष्ट्रपती, ह्या संविधानाच्या उपबंधां खाला वित्त आयोगान केल्ली दर एक शिफारस, तिचेर कसली कारवाय केली ताचें स्पश्टीकरण करपी निवेदना सयत, संसदेच्या दर एका सभाघरा मुखार दवरूंक लायतलो.

*प्रकीर्ण वित्तीय उपबंध*

**282. संघराज्यान वा राज्यान आपणाल्या म्हासुलांतल्यान भागोवपा सारको खर्च.**—कसलेंय भौशीक प्रयोजन, जांचे विशीं संसदेच्यान वा, राज्य विधीमंडळाच्यान, जशें आसत तशें, कायदो करूं येता अशे तरेचें नासलें तरी, संघराज्याच्यान वा त्या राज्याच्यान ते खातीर कसलींय अनुदानां दिवं येतात.

**283. एकवटीत निधी, आकस्मीकताय निधी आनी लोकलेख्यांच्या खात्यांत जमा केल्लो दुडू हांची अभिरक्षा, आदी.**—(1) भारताचो एकवटीत निधी आनी भारताचो आकस्मीकताय निधी हांची अभिरक्षा, अशा निधींत दुडवांचो भरणो करप, तातूंतल्यान दुडू काडप, अश्या निधींत जमा जाल्ले परस वेगळ्या अशा, भारत सरकारान वा ताचे वतीन स्विकारिल्ल्या भौशीक दुडवांची अभिरक्षा, ताचो भारताच्या लोकलेख्याच्या खात्यांत भरणो करप आनी अश्या खात्यांतल्यान दुडू काडप ह्यो आनी पयलीं सांगिल्ल्या बाबीं कडेन निगडीत वा तांकां सहाय्यक अश्यो हेर सगल्यो बाबी संसदेन केल्ल्या कायद्या वरवीं विनेमीत जातल्यो, आनी ते संबंदांत हे प्रमाणें उपबंध करून जायसर, राष्ट्रपतीन केल्ल्या नेमां वरवीं विनेमीत जातल्यो.

(2) राज्याचो एकवटीत निधी आनी राज्याचो आकस्मीकताय निधी हांची अभिरक्षा, अशा निधींत दुडवांचो भरणो करप, तातूंतल्यान दुडू काडप, अशा निधींत जमा जाल्ले परस वेगळ्या अशा राज्य सरकारान वा ताचे वतीन स्विकारिल्ल्या भौशीक दुडवाची अभिरक्षा, ताचो राज्याच्या लोकलेख्याच्या खात्यांत भरणो करप आनी अशा खात्यांतल्यान दुडू काडप ह्या आनी वयर सांगल्यात त्या बाबीं कडेन निगडीत तांकां सहाय्यक अश्यो सगल्यो बाबी राज्य विधीमंडळान केल्ल्या कायद्या वरवीं विनेमीत जातल्यो, आनी ते संबंदांत हे प्रमाणें उपबंध करून जायत मेरेन, त्या राज्याच्या राज्यपालान [1]*** केल्ल्या नेमां वरवीं विनेमीत जातल्यो.

**284. लोकसेवक आनी न्यायालयां हांकां मेळिल्ल्यो पक्षकारांच्यो जमाराशी आनी हेर दुडू हांची अभिरक्षा.**—(क) संघराज्याचो वा खंयच्याय राज्यांच्या कारभाराच्या संबंदांत नेमिल्लो अधिकारी ह्या नात्यान खंयच्याय अधिकाऱ्याक, भारत सरकारान वा राज्यशासनान, जशें आसत तशें, जमयिल्लो वा ताका मेळिल्लो म्हासूल वा भौशीक दुडू हाचे भायर हेर स्वरुपांत; वा

(ख) भारताच्या राज्यक्षेत्रांतल्या खंयच्याय न्यायालया कडेन, कसलेंय काम, बाब, लेखा वा व्यक्ती,

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं “वा राजप्रमूख” हीं उतरां काडलीं.

हांच्या नांवान मेळिल्ल्या वा, तांचे कडेन जमा जाल्ल्या सगल्या दुडवांचो भरणो भारताच्या लोकलेख्यांनी वा राज्याच्या लोकलेख्यांनी, जशें आसत तशें करतले.

**285. संघराज्याचे संपत्तेक राज्याचे कर लावणेंतल्यान मेकळीक.**—(1) राज्यान वा राज्यांतल्या खंयच्याय प्राधिकरणान लायिल्ल्या सगल्या करां पासून संघराज्याचे संपत्तेक, संसद कायद्या वरवीं हेर कितेंय उपबंध करीत तितलें सोडून हरशीं, मेकळीक मेळटली.

(2) संघराज्याची कसलीय संपत्ती ह्या संविधानाच्या आरंभाचे निकटपूर्व ज्या कराक पात्र आशिल्ली वा पात्र अशें मानिल्लें असो कसलोय कर, अशे संपत्तेचेर तो कर लावपाक, संसद कायद्या वरवीं हेर कितेंय उपबंध करीसर, पोटकलम (1) हातूंतले खंयचेच बाबीक लागून प्रतिबंध जावचो ना.

**286. म्हालाची विक्री वा खरेदी हाचेर कर लावपा संबंदांतलीं बंधनां.**—(1) राज्याचो खंयचोच कायदो [1][म्हालाचे वा सेवांचे, वा दोनांचेय पुरवणेचेर, जंय अशी पुरवण जाता थंय कसलोय कर लावंक शकचो ना, वा तो लावपाचो अधिकार दिवंक शकचो ना.]—

(क) राज्या भायर; वा

(ख) [2][म्हालाचे वा सेवांचे वा दोनांचेय] भारताच्या प्रदेशांत आयातीच्या ओगांत, वा [2][म्हालाचे वा सेवांचे वा दोनांचेय] भारताच्या प्रदेशांतल्यान निर्यातीच्या ओगांत.

[3][* * * *]

[4][(2) संसद, कायदो करून, निर्धारीत करूंक तत्वां थारावं येता, जेन्ना [5][वस्तूंची वा सेवांची वा दोनांचीय पुरवण, जंय अशी पुरवण जाता] पोटकलम (1) हातूंत उल्लेख केल्ल्यांतल्या खंयच्याय मार्गान.

[6][(3) * * * *]

**287. विजे वयल्या करां पसून मेकळीक.**—जी वीज,

---

[1] संविधान (एकशें एकावो बदल) अधिनेम, 2016, कलम 13, (i)(क) (16-9-2016 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "जंय वस्तूंची अशी विक्री वा खरेदी जाता थंय ती विक्री वा खरेदी" हे सुवातेर घालें.

[2] कित्तो- कलम 13 (i)(ख) (16-9-2016 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "म्हाल" हे सुवातेर घालें.

[3] संविधान (सवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 4 (11-9-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं पोटकलम (1) हाची *फोडणिशी* काडली.

[4] कित्तो- कलम 4 (11-9-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं पोटकलम (2) आनी (3) हे सुवातेर घालें.

[5] संविधान (एकशें एकावो बदल) अधिनेम, 2016, कलम 13(ii) (16-9-2016 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "म्हालाची विक्री वा खरेदी जाता" हे सुवातेर घालें.

[6] कित्तो- कलम 13(iii) (16-9-2016 हे तारखे सावन लागू) वरवीं पोटकलम (3) काडलें.

(क) भारत सरकारा कडल्यान वापरप जाता वा भारत सरकाराच्या वापरा खातीर त्या सरकाराक विकप जाता; वा

(ख) खंयचीय रेल्वे बांदप, तिची देखभाल करप वा ती चलोवप ह्या कामांनी भारत सरकारा कडल्यान वा ती रेल्वे चलोवपी रेल्वे कम्पनी कडल्यान वापरप जाता वा खंयचीय रेल्वे बांदप, तिची देखभाल करप वा ती चलोवप ह्या कामांनी वापरपा खातीर त्या सरकाराक वा अशे खंयचेय रेल्वे कम्पनीक विकप जाता, (मागीर तिचें उत्पादन सरकारान केल्लें आसूं नाजाल्यार हेर कोणे व्यक्तीन केल्लें आसूं) तिच्या वापराचेर वा विक्रेचेर, संसद कायद्या वरवीं हेर कितेंय उपबंध करीत तितलें सोडून हरशीं, राज्याच्या खंयच्याच कायद्या वरवीं कर लावपाक मेळचो ना,

आनी विजेचे विक्रेचेर कर लावपी वा लावप प्राधिकृत करपी अशा कसल्याच कायद्या वरवीं, भारत सरकाराक त्या सरकाराच्या वापरा खातीर वा पयलीं सांगल्या अशे खंयचेय रेल्वे कम्पनीक खंयचीय रेल्वे बांदप, तिची देखभाल करप वा ती चलोवप ह्या कामां खातीर विकिल्ले विजेचो दर हो विजेचो भरीव प्रमाणांत वापर करपी हेर उपभोक्त्यांचेर लायतात त्या दरा परस करां इतले रकमेन उणो आसतलो अशी खात्रीलायक तजवीज करतले.

**288. उदक आनी वीज हांचे विशीं राज्यांनी केल्ले कर लावणे पसून विशिश्ट बाबींनी मेकळीक.**—(1) राष्ट्रपती आदेशा वरवीं हेर कितेंय उपबंध करीत तितलें सोडून हरशीं, ह्या संविधानाच्या आरंभाचे निकटपूर्व लागू आशिल्लो राज्याचो कसलोय कायदो हो खंयचीय आंतरराज्य न्हंय वा न्हंये-देगण हांचें विनेमन वा विकास करपा खातीर खंयच्याय विद्यमान कायद्या वरवीं वा संसदेन केल्ल्या खंयच्याय कायद्या वरवीं स्थापन केल्ल्या खंयच्याय प्राधिकरणान सांठयिल्ल्या, निर्माण केल्ल्या कसल्याय उदकाच्या वा विजेच्या संबंदांत कर लावचो ना वा तो लावप प्राधिकृत करचो ना.

*फोडणिशी.*—ह्या पोटकलमांतल्या “विद्यमान राज्याचो कायदो” ह्या उतरांनी ह्या संविधानाच्या आरंभा पयलीं पास केल्लो वा केल्लो आनी ते पयलीं निरसीत करूंक नाशिल्लो राज्याचो कायदो आसपावीत आसतलो – मागीर तो वा ताचे भाग त्या वेळार मातूय वा खाशेल्या क्षेत्रांनी लागू नाशिल्ले अशें आसल्यारूय हरकत ना.

(2) राज्य विधीमंडळाच्यान पोटकलम (1) हातूंत उल्लेखिल्लो असो कसलोय कर कायद्या वरवीं लावं येता वा लावप प्राधिकृत करूं येता, पूण असो कसलोय कायदो राष्ट्रपतीच्या विचारा खातीर राखून दवरून ताका ताची अनुमती मेळ्ळे बगर तो कसलेच तरेन परिणामक जावचो ना, आनी जर अशा खंयच्याय कायद्यांत, अशा कराच्यो दरो वा हेर अनुशंगीक बाबी खंयच्याय प्राधिकरणान त्या कायद्या खाला करपाच्या नेमांचे वा आदेशांचे वरवीं निश्चीत करच्यो असो उपबंध केल्लो आसत जाल्यार तातूंत असो कसलोय नेम वा आदेश करपा खातीर राष्ट्रपतीची पूर्वसंमती मेळोवंक जाय असो उपबंध करचो पडटलो.

**289. राज्याचे संपत्तीक आनी प्राप्तीक संघराज्यीक कर लावणेंतल्यान मेकळीक.**—(1) राज्याची संपत्ती आनी प्राप्ती हांकां संघराज्यीक कर लावणेंतल्यान मेकळीक आसतली.

(2) राज्य सरकारान वा ताचे वतीन चलयिल्लो कसलेय तरेचो वेपार वा धंदो वा ताचे कडेन निगडीत आशिल्ले कसलेय वेव्हार वा अशा वेपाराच्या वा धंद्याच्या प्रयोजना खातीर वापरिल्ली वा ताब्यांत घेतिल्ली कसलीय संपत्ती वा तिच्या संदर्भांत उपार्जीत जावपी वा उप्रासपी कसलीय प्राप्ती हांचे विशीं संसदेन कायद्या वरवीं जर कितेंय मर्यादा घालून दिली आसत जाल्यार तितले मर्यादे मेरेन संघराज्यान कसलोय कर लावपाक वा लावप प्राधिकृत करपाक पोटकलम (1) हातूंतले खंयचेच बाबीक लागून प्रतिबंध जावचो ना.

(3) पोटकलम (2) हातूंतली खंयचीय बाब, संसद कायद्या वरवीं शासनाच्या सर्वसादारण कार्याक अनुशंगीक म्हूण घोशीत करीत अशा कसल्याच वेपाराक वा धंद्याक वा वेपाराच्या वा धंद्याच्या खंयच्याच वर्गाक लागू आसची ना.

**290. विशिश्ट खर्च आनी पॅन्शनां हांचे संबंदीं समायोजन.**—जेन्ना ह्या संविधानाच्या उपबंधां खाला खंयच्याय न्यायालयाचो वा आयोगाचो खर्च वा ह्या संविधानाच्या आरंभा पयलीं ब्रिटीश राजसत्ते खाला भारतांत वा अशा आरंभा उपरांत संघराज्याच्या वा राज्याच्या कारभारा संबंदांत जे व्यक्तीन सेवा केल्ली आसा तिका वा तिचे विशीं दिवपाचीं पॅन्शनां भारताच्या एकवटीत निधीचेर वा खंयच्याय राज्याच्या एकवटीत निधीचेर प्रभारीत आसत तेन्ना, जर—

(क) भारताच्या एकवटीत निधी वयल्या प्रभाराच्या संबंदांत, त्या न्यायालयान वा आयोगान खंयच्याय राज्याच्या स्वतंत्र कामां मदल्या कसल्याय कामाची गरज भागयल्या आसत वा ते व्यक्तीन खंयच्याय राज्याच्या कारभारा संबंदांत पुरायेन वा अंशतायेन सेवा केल्ली आसत जाल्यार; वा

(ख) खंयच्याय राज्याच्या एकवटीत निधी वयल्या प्रभाराच्या संबंदांत, त्या न्यायालयान वा आयोगान संघराज्याच्या वा दुसऱ्या राज्याच्या स्वतंत्र कामां मदल्या कसल्याय कामाची गरज भागयल्या आसत वा ते व्यक्तीन संघराज्याच्या वा दुसऱ्या राज्याच्या कारभारा संबंदांत पुरायेन वा अंशतायेन सेवा केल्ली आसत जाल्यार,

तांचे भितर एकमतान थारतलें वा एकमत जालें ना जाल्यार भारताच्या मुख्य न्यायमुर्तीन नियुक्त करपाच्या लवादा कडल्यान निर्धारीत जातलें अशें खर्चा विशींचें वा पॅन्शना विशींचे अंशदान त्या राज्याच्या एकवटीत निधीचेर वा त्या दुसऱ्या राज्याच्या एकवटीत निधीचेर प्रभारीत करतले आनी तातूंतल्यान दितले.

[1][**290क. विशिश्ट देवस्वम निधींनी वर्सुको भरणो.**—दर वर्सा शेचाळीस लाख पन्नास हजार रुपयांची रक्कम केरळ राज्याच्या एकवटीत निधीचेर प्रभारीत करून ती त्या निधींतल्यान त्रावणकोर देवस्वम निधीक दितले, आनी दर वर्सा तेरा लाख पन्नास हजार रुपयांची रक्कम [2][तमिळनाडू] राज्याच्या एकवटीत निधीचेर प्रभारीत करून ती त्या निधींतल्यान 1 नोव्हेंबर 1953 ह्या दिसा त्रावणकोर-कोची राज्यांतल्यान त्या राज्या कडेन हस्तांतरीत जाल्ल्या राज्यक्षेत्रांतल्या हिंदू देवालयांचे आनी पवित्र स्थानांचे देखभाली खातीर त्या राज्यांत स्थापन जाल्ल्या देवस्वम निधीक दितले.]

---

[1] संविधान (सातवो बदल), 1956, कलम 19 (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[2] मद्रास राज्य (नांवांत फेरबदल) अधिनेम, 1968 (1968चो 53वो), कलम 4 (14-1-1969 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "मद्रास" हे सुवातेर घालें.

**291.** [*अधिपतींच्या खासगत तनख्यांच्यो रकमो.*].—*संविधान (सव्विसावो बदल) अधिनेम, 1971, कलम 2 (28-12-1971 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें.*

## प्रकरण II.—रिणां काडप

**292. भारत सरकारान रीण काडप.**—संसदे कडल्यान कायद्या वरवीं त्या-त्या वेळार निश्चीत जातल्यो अश्यो ज्यो कितें मर्यादा आसतीत त्यो सांबाळून, भारताच्या एकवटीत निधीचे प्रतिभुतीचेर रिणां काडप आनी अशे तरेन निश्चीत करतले अश्यो जर कितेंय मर्यादा आसतीत जाल्यार त्यो सांबाळून, हमी दिवप हे संघराज्याच्या शासनाधिकाराचे व्याप्तेंत येतलें.

**293. राज्यांनी रिणां काडप.**—(1) ह्या अनुच्छेदाच्या उपबंधांचे अधीनतायेन, अशा राज्यांच्या विधीमंडळा कडल्यान कायद्या वरवीं त्या-त्या वेळार निश्चीत करतले अश्यो जर कितेंय मर्यादा आसतीत जाल्यार त्यो सांबाळून, राज्याचे एकवटीत निधीचे प्रतिभुतीचेर भारताच्या राज्यक्षेत्रांत रिणां काडप आनी अशे तरेन निश्चीत करतले अश्यो जर कितेंय मर्यादा आसतीत जाल्यार त्यो सांबाळून, हमी दिवप हें राज्याच्या शासनाधिकाराचे व्याप्तेंत येतलें.

(2) भारत सरकाराचे संसदेन केल्ल्या कसल्याय कायद्या वरवीं वा ताचे खाला घालून दितले अशे अटीचे अधीनतायेन खंयच्याय राज्याक रिणां दिवं येतात वा अनुच्छेद 292 खाला निश्चीत केल्ल्यो कसल्योय मर्यादा हुपप जायना तितले मेरेन, खंयच्याय राज्यान उबारिल्ल्या रिणां संबंदीं हमी दिवं येता आनी अशीं रिणां दिवपाच्या प्रयोजना खातीर गरजेच्यो आशिल्ल्यो कसल्योय रकमो भारताच्या एकवटीत निधीचेर प्रभारीत करतले.

(3) भारत सरकारान वा ताच्या पुर्वाधिकारी सरकारान राज्याक जें रीण दिल्लें आसत वा जाचे विशीं भारत सरकारान वा ताच्या पुर्वाधिकारी सरकारान हमी दिल्ली आसत त्या रिणाचो कसलोय वांटो अजून दिवपाचो बाकी आसत जाल्यार, त्या राज्याक भारत सरकाराचे संमती बगर कसलेंच रीण उबें करूंक मेळचें ना.

(4) पोटकलम (3) खाला, भारत सरकाराच्यान फावोश्यो दिसतात अश्यो जर कितेंय अटी घालपाच्यो आसतीत जाल्यार तांचे अधीनतायेन, संमती दिवं येता.

## प्रकरण III.—संपत्ती, संविदा, अधिकार, दायित्वां, आबंधनां आनी दावे

**294. विशिश्ट बाबींनी संपत्ती, मालमत्ता, अधिकार, दायित्व आनी आबंधनां हांचे संबंदींचे उत्तराधिकार.**—ह्या संविधानाच्या आरंभाक आनी तेन्ना सावन—

(क) अशा आरंभाचे निकटपूर्व जी डॉमिनियन ऑफ इण्डिया सरकाराच्या प्रयोजना खातीर हिज मॅजेस्टीचे ठांय निहीत आशिल्ली अशी सगली संपत्ती आनी मालमत्ता आनी अशा आरंभाचे निकटपूर्व जी दर एक गव्हर्नर-प्रांत सरकाराच्या प्रयोजनां खातीर हिज मॅजेस्टीचे ठांय निहीत आशिल्ली अशी सगली संपत्ती अनुक्रमान संघराज्य आनी समानुरूप राज्य हांचे ठांय निहीत जातली; आनी

(ख) डॉमिनियन ऑफ इण्डिया सरकाराचे आनी दर एका गव्हर्नर-प्रांत सरकाराचे सगले अधिकार, दायित्वां आनी आबंधनां हीं - मागीर तीं कसलेय संविदेंतल्यान उप्राशिल्लीं आसूं वा हेर तरेन उप्राशिल्लीं आसूं - अनुक्रमान भारत सरकाराचीं आनी दर एका समानुरूप राज्य सरकाराचीं अधिकार, दायित्वां आनी आबंधनां थारतलीं,

ह्या संविधानाच्या आरंभा पयलीं पाकिस्तान डॉमिनियनाची वा पश्चीम बंगाल, पूर्व बंगाल, पश्चीम पंजाब आनी पूर्व पंजाब ह्या प्रांतांची निर्मणी जाल्ल्या कारणान केल्ले वा करपाचे कसलेय समायोजनेचो हे संबंदीं आडवाद उरतलो.

**295. हेर बाबींनी संपत्ती, मालमत्ता, अधिकार, दायित्व आनी आबंधनां हांचे संबंदींचे उत्तराधिकार.**—(1) ह्या संविधानाच्या आरंभाक आनी तेन्ना सावन—

(क) अशा आरंभाचे निकटपूर्व जी पयले अनुसुचीच्या भाग (ख) हातूंत विनिर्दिश्ट केल्ल्या राज्याक समानुरूप आशिल्ल्या खंयच्याय भारतीय संस्थानाचे ठांय निहीत आशिल्ली अशी सगली संपत्ती आनी मालमत्ता ही अशा आरंभाचे निकटपूर्व अशी संपत्ती आनी मालमत्ता जे खातीर धारण केल्ली तीं प्रयोजनां ते उपरांत संघराज्य वळेरेंत नमूद केल्ले मदल्या कसल्याय बाबीं कडेन संबंदीत आशिल्लीं भारत सरकाराचीं प्रयोजनां जालीं जाल्यार, संघराज्याचे ठांय निहीत जातलीं, आनी

(ख) पयले अनुसुचीच्या भाग (ख) हातूंत विनिर्दिश्ट केल्ल्या राज्याक समानुरूप आशिल्ल्या खंयच्याय भारतीय संस्थानाचे सगले अधिकार, दायित्वां आनी आबंधनां हीं - मागीर तीं खंयचेय संविदेंतल्यान उप्राशिल्लीं आसूं वा हेर तरेन उप्राशिल्लीं आसूं - अशा आरंभा पयलीं जे खातीर संपादन केल्लीं वा अशीं दायित्वां वा आबंधनां येवन पडिल्लीं तीं प्रयोजनां उपरांत संघराज्य वळेरेंत नमूद केल्ले मदले खंयचेय बाबी कडेन संबंदीत आशिल्लीं भारत सरकाराचीं प्रयोजनां जालीं जाल्यार, भारत सरकाराचीं अधिकार, दायित्वां आनी आबंधनां थारतलीं,

भारत सरकारान ते संबंदांत त्या संस्थानाच्या सरकारा वांगडा केल्ल्या कसल्याय कराराचो हे संबंदांत आडवाद उरतलो.

(2) पयलीं सांगिल्ले वरी त्या-त्या बाबींचे अधीनतायेन, पोटकलम (1) हातूंत विनिर्दिश्ट केल्ले परस हेर सगली संपत्ती, मालमत्ता आनी अशे सगले अधिकार, दायित्वां आनी आबंधनां - मागीर तीं खंयचेय संविदेंतल्यान उप्राशिल्लीं आसूं वा हेर तरेन उप्राशिल्लीं आसूं – तांचे विशीं पयले अनुसुचीच्या भाग (ख) हातूंत विनिर्दिश्ट केल्ल्या दर एका राज्याचें सरकार हें ह्या संविधानाच्या आरंभाक आनी तेन्ना सावन समानुरूप भारतीय संस्थानाच्या सरकाराचो उत्तराधिकारी जातलें.

**296. राजगामी वा व्यपगत वा बेवारशी मालमत्ता म्हूण उपार्जीत जावपी संपत्ती.**—हातूंत हे फुडें उपबंधीत केलां ते प्रमाणें ते - ते बाबीचे अधीनतायेन, हें संविधान लागू जावंक नाशिल्लें जाल्यार जी संपत्ती राजगामी वा व्यपगत म्हूण वा साधिकार धनयाच्या अभावान बेवारशी मालमत्ता म्हूण, जशें आसत तशें हिज मॅजेस्टीक वा खंयच्याय भारतीय संस्थानाच्या अधिपतीक उपार्जीत, जावपाची अशी भारताच्या राज्यक्षेत्रांतली खंयचीय संपत्ती, जर ती खंयच्याय राज्यांतली संपत्ती आसत जाल्यार, त्या राज्याचे ठांय निहीत जातली आनी हेर कसल्याय संबंदांत, संघराज्याचे ठांय निहीत जातली:

ताका शर्त अशी कीं, अशे तरेन जर कोणूय हिज मॅजेस्टीक वा खंयच्याय भारतीय संस्थानाच्या अधिपतीक ती जेन्ना उपार्जीत जातली आशिल्ली ते तारखेक भारत सरकाराच्या वा खंयच्याय राज्य सरकाराच्या ताब्यांत वा नियंत्रणा खाला आसत जाल्यार अशी कसलीय संपत्ती, ज्या प्रयोजनां खातीर ती त्या वेळार वापरिल्ली वा धारण केल्ली आसत ती संघराज्याचीं वा राज्याचीं प्रयोजनां आसतीत ते प्रमाणें संघराज्याचे वा त्या राज्याचे ठांय निहीत जातली.

*फोडणिशी.*—ह्या अनुच्छेदांत "अधिपती" आनी "भारतीय संस्थान" ह्या उतरांक अनुच्छेद 363 हातूंत आशिल्लोच अर्थ आसा.

[1][**297. क्षेत्रीय जलधी वा सागरमग्न खंडभुमी हांचे भितरल्यो मोलादीक म्हाल आनी अनन्यसादारण अर्थीक परिक्षेत्रांतली साधनसंपत्ती संघराज्याचे ठांय निहीत आसप.**—(1) भारताचो क्षेत्रीय जलधी, ताची सागरमग्न खंडभुमी वा ताचें अनन्यसाधारण अर्थीक परिक्षेत्र हांचे भितरल्यो दर्या पोंदा आशिल्ल्यो सगल्यो जमनी, खनिजां आनी हेर मोलादीक म्हाल संघराज्याचे ठांय निहीत जातले आनी संघराज्याच्या प्रयोजना खातीर ते धारण करतले.

(2) भारताच्या अनन्यसाधारण अर्थीक परिक्षेत्रांतली हेर सगली साधनसंपत्ती हीय संघराज्याचे ठांय निहीत आसतली आनी संघराज्याच्या प्रयोजना खातीर ती धारण करतलें.

(3) भारताचो क्षेत्रीय जलधी, ताची सागरमग्न खंडभुमी, ताचें अनन्यसाधारण अर्थीक परिक्षेत्र आनी हेर सागरी परिक्षेत्रां हांच्यो मर्यादा हे संसदेन केल्ल्या खंयच्याय कायद्या वरवीं वा ताचे खाला त्या-त्या वेळार विनिर्दिश्ट करतले ते प्रमाणें आसतल्यो.]

[2][**298. वेपार बी चलोवपाचो अधिकार.**—कसलोय वेपार वा धंदो चलोवप आनी संपत्ती संपादन करप, धारण करप वा तिचो विलो लावप आनी कसल्याय प्रयोजना खातीर संविदा करप हें संघराज्याच्या आनी दर एका राज्याच्या शासनाधिकाराचे व्याप्तेंत येतलें:

ताका शर्त अशी कीं—

(क) संघराज्याचो वयलो शासनाधिकार, जितले मेरेन असो वेपार वा धंदो वा अशें प्रयोजन हें, जे विशीं संसदेच्यान कायदे करूं येतात अश्या तरांचो नासत तितले मेरेन, दर एका राज्यांत त्या राज्यान केल्ल्या विधीविधानाचे अधीन आसतलो; आनी

(ख) दर एका राज्याचो वयलो शासनाधिकार, जितले मेरेन असो वेपार वा धंदो वा अशें प्रयोजन हें जाचे विशीं राज्य विधीमंडळाच्यान कायदे करूं येतात अश्या तरांचो नासत तितले मेरेन, संसदेन केल्ल्या विधीविधानाचे अधीन आसतलो.]

---

[1] संविधान (चाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 2 (27-5-1976 हे तारखे सावन लागू) वरवीं घालें.

[2] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 20 (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं घालें.

**299. संविदा.**—(1) संघराज्याच्या वा राज्याच्या शासनाधिकाराचो वापर करून केल्ल्यो सगल्यो संविदा, जशें आसत तशें, राष्ट्रपती कडल्यान वा राज्याच्या राज्यपाला कडल्यान [1]*** केल्यात अशें व्यक्त करतले, आनी त्या अधिकाराचो वापर करून केल्ल्यो अश्यो सगल्यो संविदा आनी संपत्तीचीं सगलीं हस्तांतरणपत्रां राष्ट्रपतीचे वा राज्यपालाचे [1]*** वतीन, तो निर्देशीत वा प्राधिकृत करतलो अशे व्यक्ती कडल्यान आनी अशे रितीन निश्पादीत करतले.

(2) ह्या संविधानाच्या प्रयोजना खातीर वा हाचे पयलीं मेरेन लागू आशिल्ल्या भारत सरकारा संबंदींच्या खंयच्याय अधिनेमाच्या प्रयोजना खातीर केल्ली वा निश्पादिल्ली कसलीच संविदा वा आश्वासनपत्र हे संबंदान राष्ट्रपती वा राज्यपाल [2]*** हांचे मदलो कोणूच व्यक्तीशा दायी आसचो ना, तशेंच तांचे मदल्या कोणाचेय वतीन अशी कसलीय संविदा वा आश्वासनपत्र करपी वा निश्पादीत करपी खंयचीच व्यक्ती ते संबंदीं व्यक्तीशा दायी जावची ना.

**300. वाद आनी कार्यवाही.**—(1) भारत सरकाराच्यान वा ताचे आड भारतीय संघराज्याच्या नांवान दावे करूं येतात आनी राज्याच्या सरकाराच्यान वा ताचे आड त्या राज्याच्या नांवान दावो करूं येता आनी ह्या संविधानान प्रदान केल्ल्या अधिकारांच्या आदारान अधिनेमीत करतले अशा खंयच्याय उपबंधाचे अधीनतायेन, आपाआपल्या कारभारा संबंदान तांच्यांनी वा तांचे आड, जर हें संविधान अधिनेमीत जावंक नाशिल्लें जाल्यार डॉमिनियन ऑफ इण्डिया आनी समानुरूप प्रांत वा समानुरूप भारतीय संस्थानां हांच्यांनी वा तांचे आड जे संबंदान दावो करूं येतालो, तश्या सारकिल्याच बाबींनी दावो करूं येता.

(2) जर ह्या संविधानाच्या आरंभाक—

(क) जातूंत डॉमिनियन ऑफ इण्डिया हो एक पक्षकार आसा अशी कसलीय कायदेशीर कार्यवाही प्रलंबीत आसत जाल्यार, ते कार्यवाहेंत भारतीय डॉमिनियनाचे सुवातेर भारतीय संघराज्य आयलां अशें मानतले; आनी

(ख) जातूंत खंयचोय प्रांत वा भारतीय संस्थान हो एक पक्षकार आसा, अशी खंयचीय कायदेशीर कार्यवाही प्रलंबीत आसत जाल्यार ते कार्यवाहेंत प्रांताचे वा भारतीय संस्थानाचे सुवातेर समानुरूप राज्य आयलां अशें मानतले.

## [3][प्रकरण IV.—संपत्तीचो अधिकार

**300क. कायद्यान प्राधिकार दिले बगर व्यक्तींक संपत्ती पसून वंचीत करप ना.**—कायद्यान प्राधिकार दिले बगर खंयचेच व्यक्तीक तिचे संपत्ती पसून वंचीत करचे नात.]

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956 कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "वा राजप्रमूख" हीं उतरां काडलीं.

[2] कित्तो- कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "राजप्रमूख" हीं उतरां काडलीं.

[3] संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 34 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

# भाग XIII

# भारताच्या राज्यक्षेत्रांतलो वेपार, वाणिज्य आनी वेव्हारसंबंध

**301. वेपार, वाणिज्य आनी वेव्हारसंबंद हांचें स्वातंत्र्य.**—ह्या भागाच्या हेर उपबंधांचे अधीनतायेन, भारताच्या राज्यक्षेत्रांत सगले कडेन वेपार, वाणिज्य आनी वेव्हारसंबंद हांचें स्वातंत्र्य आसतलें.

**302. वेपार, वाणिज्य आनी वेव्हारसंबंद हांचेर निर्बंध घालपाचो संसदेचो अधिकार.**—संसदेच्यान कायद्या वरवीं, वेगळ्या-वेगळ्या राज्यां मदीं वा भारताच्या राज्यक्षेत्राच्या खंयच्याय भागांत वेपार, वाणिज्य आनी वेव्हारसंबंद हांच्या स्वातंत्र्याचेर भौशीक हिताचे नदरेन गरजेचे आसतीत अशे निर्बंध घालूं येतात.

**303. वेपार आनी वाणिज्य हांचे विशींच्या संघराज्याच्या आनी राज्यांच्या वैधानीक अधिकारांचेर निर्बंध.**—(1) अनुच्छेद 302 हातूंत कितेंय आसलें तरी, सातवे अनुसुचींतले खंयचेय वळेरेंतलो वेपार आनी वाणिज्य हांचे संबंदींचे कसलेय नोंदीच्या आदारान एका राज्याक दुसऱ्या परस अग्रक्रम दिवपी वा दिवप प्राधिकृत करपी वा राज्या-राज्यां मदीं भेदभाव करपी वा तो करप प्राधिकृत करपी कसलोय कायदो करपाचो संसद वा राज्य विधीमंडळ हांचे मदल्या कोणाकूच अधिकार आसचो ना.

(2) कसलोय अग्रक्रम दिवपी वा दिवप प्राधिकृत करपी वा कसलोय भेदभाव करपी वा करप प्राधिकृत करपी कसलोय कायदो करप हें भारताच्या राज्यक्षेत्राच्या खंयच्याय भागांतल्या म्हाल–उणावांतल्यान उप्रासपी परिस्थिती हाताळपाच्या प्रयोजना खातीर गरजेचें आसा अशें अश्या कायद्या वरवीं घोशीत केलां आसत जाल्यार, असो कायदो करपाक संसदेक पोटकलम (1) हातूंतले खंयचेच बाबीक लागून आडखळ आसची ना.

**304. राज्या - राज्यां मदले वेपार, वाणिज्य आनी वेव्हारसंबंद हांचेर निर्बंध.**—अनुच्छेद 301 वा अनुच्छेद 303 हातूंत कितेंय आसलें तरी, राज्याच्या विधीमंडळाच्यान कायद्या वरवीं—

(क) हेर राज्यांतल्यान [1][वा केंद्रशीत प्रदेशांतल्यान] आयात केल्ल्या म्हालाचेर त्या राज्यांत निर्मिल्लो वा उत्पादीत केल्लो सद्दश म्हाल जाका अधीन आसत असो कसलोय कर लावं येता, मात अशे तरेन कीं, जाका लागून असो आयात केल्लो म्हाल आनी असो निर्मिल्लो वा उत्पादिल्लो म्हाल हांचे भितर भेदभाव जावचो ना; आनी

(ख) त्या राज्या वांगडा वा ताचे भितर जावपी वेपार, वाणिज्य आनी वेव्हारसंबंद हांच्या स्वातंत्र्याचेर भौशीक हिता खातीर गरजेचे आसतीत अशे योग्य निर्बंध घालूं येतात:

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

ताका शर्त अशी कीं, पोटकलम (ख)च्या प्रयोजना खातीर खंयचेंय विधेयक वा बदल राज्याच्या विधीमंडळांत राष्ट्रपतीचे पूर्वमान्यताये बगर प्रस्तूत करचे नात वा मांडचे नात.

[1][**305. विद्यमान आशिल्ले कायदे आनी राज्याच्या एकाधिकाराचे उपबंध करपी कायदे हांचो आडवाद.**—अनुच्छेद 301 आनी 303 हातूंतले खंयचेय बाबीक लागून खंयच्याय अस्तित्वांत आशिल्ल्या कायद्याच्या उपबंधांचेर, राष्ट्रपती आदेशा वरवीं हेर तरेन निदेशीत करीत तितलें सोडून हरशीं, परिणाम जावचो ना; आनी अनुच्छेद 301 हातूंतले खंयचेच बाबीक लागून, संविधान (चवथो बदल) अधिनेम, 1955 हाच्या आरंभा पयलीं केल्लो खंयचोय कायदो हो अनुच्छेद 19 हाचें पोटकलम (6)चे उप-पोटकलम (ii) हातूंत निर्दिश्ट केल्ले अशे खंयचेय बाबी कडेन संबंदीत असो कसलोय कायदो करपाक संसदेक वा राज्याच्या विधीमंडळाक आडखळ जावची ना.]

**306.** [*पयले अनुसुचीचो भाग ख हातूंतल्या विशिश्ट राज्यांचो वेपार आनी वाणिज्य हांचेर बंधनां घालपाचो अधिकार.*].—*संविधान (सातवो बदल) अधिनेम,* 1956, *कलम* 29 *आनी अनुसुची (*1-11-1956 *हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें.*

**307. अनुच्छेद 301 ते 304 ह्या अनुच्छेदांचीं प्रयोजनां निभावपा खातीर प्राधिकरणाची नियुक्ती.**—संसदेच्यान कायद्या वरवीं अनुच्छेद 301, 302, 303 आनी 304 हांचीं प्रयोजनां निभावपा खातीर स्वताक योग्य दिसत अशा प्राधिकरणाची नेमणूक करूं येता, आनी अशे तरेन नेमिल्ल्या प्राधिकरणा कडेन तिका गरजेचे दिसतीत अशे अधिकार आनी कर्तव्यांची सोंपोवणी करूं येता.

---

[1] संविधान (चवथो बदल) अधिनेम, 1955, कलम 4 (27-4-1955 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 305 हे सुवातेर घालें.

# भाग XIV

# संघराज्य आनी राज्यां हांचे अखत्यारे खालच्यो सेवा

## प्रकरण I.—सेवा

**308. अर्थावणी.**—ह्या भागांत, संदर्भाक लागून हेर तरेन गरजेचें नासत जाल्यार, "राज्य" ह्या [1][शब्दप्रयोगांत जम्मू आनी काश्मीर ह्या राज्याचो आसपाव जायना.]

**309. संघराज्य वा राज्य हांचे सेवेंत आसपी व्यक्तींची भरती आनी तांच्यो सेवा.**—अटी- ह्या संविधानाच्या उपबंधाचे अधीनतायेन, समुचीत विधीमंडळाच्या अधिनेमांक संघराज्याच्या वा राज्याच्या कारभारा संबंदांतल्या लोकसेवांनी आनी लोक अधिकारपदांचेर करपाची भरती वा थंय नियुक्त करतात त्या व्यक्तींच्यो सेवा-अटी हांचें विनेमन करूं येता:

ताका शर्त अशी कीं, संघराज्याच्या कारभारा संबंदांतल्यो सेवा आनी अधिकारपदां हांचे संबंदांत राज्यपालान [2]*** वा तो निदेशीत करतलो अशे व्यक्तीन, ह्या अनुच्छेदा खाला समुचीत विधीमंडळाच्या अधिनेमा वरवीं वा ते खाला ताचे संबंदीं उपबंध करून जायसर अशा सेवांनी आनी अधिकारपदांचेर करपाची भरती वा थंय नेमणूक जावपी खंयच्याय अधिनेमांच्या उपबंधांचे अधीनतायेन परिणामक जातलें.

**310. संघराज्य वा राज्य हांचे सेवेंत आसपी व्यक्तींचो पदावधी.**—(1) ह्या संविधानान व्यक्तपणान उपबंधीत केल्लें आसत तितलें वेगळें काडून हरशीं जी जी व्यक्ती संघराज्याक संरक्षण सेवा वा नागरी सेवा वा अखील भारतीय सेवा हांची वांगडी आसत, वा संघराज्याचे अखत्यारे खालच्या संरक्षणा कडेन संबंद आशिल्लें असलें खंयचेंय अधिकारपद वा ताचे अखत्यारे खालचें कसलेंय नागरी अधिकारपद धारण करता आसत अशी दर एक व्यक्ती, राष्ट्रपतीची खोशी आससर अधिकारपद धारण करतली, आनी जी जी व्यक्ती राज्याचे नागरी सेवेची वांगडी आसत वा राज्याचे अखत्यारे खालचें कसलेंय नागरी अधिकारपद धारण करता आसत अशी दर एक व्यक्ती राज्याच्या राज्यपालाची [3]*** खोशी आससर अधिकारपद धारण करतली.

(2) संघराज्य वा राज्य हांचे अखत्यारे खालचें नागरी अधिकारपद धारण करपी व्यक्ती, जशें आसत तशें, राष्ट्रपतीची वा, राज्याच्या राज्यपालाची [2]*** खोशी आससर अधिकारपद धारण करता आसली तरीय, संरक्षण सेवेची वा अखील भारतीय सेवेची वा संघराज्य वा राज्य हांचे नागरी सेवेची

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पयले अनुसुचीच्या भाग (क) वा भाग (ख) हातूंत विनिर्दिश्ट" हे सुवातेर घालें.

[2] कित्तो- कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "वा राजप्रमूख" हीं उतरां काडलीं.

[3] कित्तो- कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "वा, जशें आसात तशें, राजप्रमूख" हीं उतरां काडलीं.

वांगडी नाशिल्ली व्यक्ती ह्या संविधाना खाला अशें अधिकारपद धारण करपा खातीर जे संविदे वरवीं नियुक्त जातली अशे खंयचेय संविदेंत, जर खाशेली पात्रताय आशिल्ले व्यक्तीची सेवा प्राप्त करून घेवपा खातीर तशें गरजेचें आसा अशें, जशें आसत तशें, राष्ट्रपतीक वा त्या राज्यपालाक [2]*** दिसलें जाल्यार,
संमत कार्यकाळाचे समाप्ते आदीं तें पद ना अशें केल्यार वा ते व्यक्तीचे गैरवागणुके कडेन संबंद नाशिल्ल्या कारणाक लागून तिका तें अधिकारपद रितें करचें पडल्यार तिका भरपाय दिवची असो उपबंध करूं येता.

**311. संघराज्य वा राज्य हांचे अखत्यारे खालच्या नागरी हुद्द्यांचेर सेवानियुक्त केल्ल्या व्यक्तींक बडतर्फ करप, अधिकारपदा वयल्यान कडेक काडप वा पदावनत करप.**—(1) जी व्यक्ती संघराज्याचे नागरी सेवेची वा अखील भारतीय सेवेची वा राज्याचे नागरी सेवेची वांगडी आसत, वा संघराज्य वा राज्य हाचे अखत्यारे खालचें नागरी अधिकारपद धारण करता आसत अशे कोणेय व्यक्तीक, ज्या प्राधिकरणान तिची नियुक्ती केल्ली ताचे परस दुय्यम आशिल्ल्या प्राधिकरणा कडल्यान बडतर्फ केली वा अधिकारपदा वयल्यान कडेक काडली अशें जावचें ना.

[1][(2) जे चवकशेंत पुर्वोक्त अशे कोणेय व्यक्तीक तिचे वयल्या दोशारोपांची माहिती करून दिल्ली आसा आनी त्या दोशारोपां संबंदीं तिका आपणालें म्हणणें मांडपाची फावोशी संद दिल्ली आसा अशी चवकशी जाले बगर [2]*** तिका बडतर्फ करचे नात वा पदा वयल्यान कडेक काडचे नात वा पदावनत करचे नात:

[3][ताका शर्त अशी कीं, अशे चवकशे उपरांत, तिका अशी कसलीय ख्यास्त दिवपाचें प्रस्तावीत केल्लें आसत ते संबंदांत, अशे चवकशेंत सादर केल्ल्या पुराव्याच्या आदारार अशी ख्यास्त दिवं येता आनी अशे व्यक्तीक ख्यास्ती आड अभिवेदन करपा खातीर कसलीच संद दिवपाची गरज आसची ना:

ताका आनीक शर्त अशी कीं, हें पोटकलम फुडल्या बाबींनी लागू जावचें ना—]

(क) कोणूय व्यक्ती जिका लागून फौजदारी दोशारोपा वयल्यान दोशी थारल्या अशे वागणुकेच्या कारणा वयल्यान तिका बडतर्फ वा अधिकारपदा वयल्यान कडेक काडल्या आसत वा पदावनत केल्या आसत ते संबंदांत; वा

(ख) कोणेय व्यक्तीक बडतर्फ वा पदा वयल्यान कडेक काडपाचो वा तिका पदावनत करपाचो अधिकार आशिल्ल्या प्राधिकरणाक कसल्याय कारणाक लागून - तें कारण त्या प्राधिकरणान नमूद करचें पडटलें - अशी चवकशी करप फावोशे तरेन वेव्हार्य ना अशें खात्रीपुर्वक दिसतलें ते संबंदांत; वा

(ग) अशी चवकशी करप राज्याचे सुरक्षीततायेचे नदरेन समयोचीत ना अशें राष्ट्रपतीक, वा जशें आसत तशें, राज्यपालाक खात्रीपुर्वक दिसतलें ते संबंदांत.

(3) जर पुर्वोक्त अशे खंयचेय व्यक्ती संबंदांत पोटकलम (2) हातूंत उल्लेखीत चवकशी करप फावो ते तरेन वेव्हार्य आसा काय कितें असो प्रस्न उप्रासलो जाल्यार, अशे व्यक्तीक बडतर्फ करपाचो वा अधिकारपदा वयल्यान कडेक काडपाचो वा तिका पदावनत करपाचो अधिकार आशिल्ल्या प्राधिकरणाचो ताचे वयलो निर्णय निमाणो आसतलो.]

[1] संविधान (पंदरावो बदल) अधिनेम, 1963, कलम 10 (5-10-1963 हे तारखे सावन लागू) वरवीं पोटकलम (2) आनी (3) हे सुवातेर घालें.

[2] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 44 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं विशिश्ट उतरां काडलीं.

[3] कित्तो- कलम 44 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं विशिश्ट उतरांचे सुवातेर घालें.

**312. अखील भारतीय सेवा.**—(1) [1][भाग VI वा भाग XIचें प्रकरण VI] हातूंत कितेंय आसलें तरी राज्यसभेंत हाजीर आशिल्ल्या आनी मतदान करपी तिच्या वांगड्यां भितरल्या उण्यांत उण्या दोन-तृतियांश वांगड्यांनी तेंको दिल्ल्या थारावा वरवीं जर तशें करप राष्ट्रहिता खातीर गरजेचें वा समयोचीत आसा अशें घोशीत केल्लें आसत जाल्यार, संसदेच्यान कायद्या वरवीं संघराज्य आनी राज्यां हांकां सामायीक अश्यो एक वा जायत्यो अखील भारतीय सेवा [2][(अखील भारतीय न्यायीक सेवा धरून)] निर्माण करपाचो उपबंध करूं येता, आनी, ह्या प्रकरणाच्या हेर उपबंधांचे अधीनतायेन, अशे खंयचेय सेवेंत करपाची भरती आनी तातूंत नियुक्त जावपी व्यक्तींच्यो सेवा-अटी हांचें विनेमन करूं येता.

(2) ह्या संविधानाच्या आरंभाक भारतीय प्रशासकी सेवा आनी भारतीय पुलीस सेवा म्हूण वळखतात त्यो सेवा संसदेन ह्या अनुच्छेदा खाला निर्माण केल्ल्यो सेवा आसात अशें मानतले.

[2][(3) पोटकलम (1) हातूंत निर्दिश्ट अखील भारतीय न्यायीक सेवेंत अनुच्छेद 236त व्याख्या केल्या अशा जिल्लो न्यायाधिशाच्या अधिकारपदा परस कनिश्ठ आशिल्ल्या खंयच्याच अधिकारपदाचो आसपाव आसचो ना.

(4) पुर्वोक्त अखील भारतीय न्यायीक सेवा निर्माण करपा खातीर उपबंध करपी कायद्यांत, त्या कायद्याच्या उपबंधांची अंमलबजावणी करपा खातीर गरजेचे आसतीत अशे, भाग VIचें प्रकरण VI हातूंत बदल करपी उपबंध आसपावीत आसतलो आनी असो कसलोय कायदो हो अनुच्छेद 368च्या प्रयोजना खातीर ह्या संविधानाचो बदल आसा अशें मानचे नात.]

[3][**312क. विशिश्ट सेवांतल्या अधिकाऱ्यांच्यो सेवा – अटी बदलपाचो वा फाटीं घेवपाचो संसदेचो अधिकार.**—(1) संसदेच्यान कायद्या वरवीं—

(क) ह्या संविधानाच्या आरंभा पयलीं ज्यो व्यक्ती सेक्रेटरी ऑफ स्टेट वा सेक्रेटरी ऑफ स्टेट इन कावन्सील हांणी ब्रिटीश राजसत्तेचे भारतीय नागरी सेवेंत नियुक्त केल्ल्यो आशिल्ल्यो आनी, संविधान (अठ्ठाविसावो बदल) अधिनेम, 1972, हाच्या आरंभाक आनी उपरांत भारताच्या वा राज्याच्या सरकाराचे अखत्यारे खालचे खंयचेय सेवेंत वा अधिकारपदाचेर उरल्या आसतीत तांचें परिश्रमीक, रजा आनी पॅन्शन हांचे संबंदांतल्यो तांच्यो सेवा-अटी आनी शिस्तीच्या बाबीं संबंदांतले तांचे अधिकार भविश्यलक्षी वा पूर्वलक्षी प्रभावान बदलूं येतात वा फाटीं घेवं येतात;

---

[1] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 45 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "भाग XI" हे सुवातेर घालें.

[2] कित्तो- कलम 45 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[3] संविधान (अठ्ठाविसावो बदल) अधिनेम, 1972, कलम 2 (29-8-1972 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

(ख) ह्या संविधानाच्या आरंभा पयलीं ज्यो व्यक्ती सेक्रेटरी ऑफ स्टेट वा सेक्रटरी ऑफ स्टेट इन कावन्सील हांणी ब्रिटीश राजसत्तेचे भारतीय नागरी सेवेंत नियुक्त केल्ल्यो आशिल्ल्यो आनी संविधान (अठ्ठाविसावो बदल) अधिनेम, 1972, हाच्या आरंभा पयलीं खंयच्याय वेळार सेवानिवृत जाल्ल्यो आसतीत वा हेर तरेन सेवेंत आसपाचें बंद जाल्लें आसत तांच्या पॅन्शनां संबंदांतल्यो सेवा-अटी भविश्यलक्षी वा पूर्वलक्षी प्रभावान बदलूं येतात वा फाटीं घेवं येतात:

ताका शर्त अशी कीं, सर्वोच्च न्यायालयाचो न्यायमुर्ती वा हेर न्यायाधीश, भारताचो नियंत्रक आनी म्हालेखा परिक्षक, संघ वा राज्य लोकसेवा आयोगाचो अध्यक्ष वा हेर वांगडी वा मुख्य वेंचणूक आयुक्त हें अधिकारपद जिणें धारण केलां वा धारण केल्लें अशे खंयचेय व्यक्तीच्या संबंदांत, अश्या अधिकारपदाचेर तिची नियुक्ती जाले उपरांत तिच्यो सेवा-अटी, ती व्यक्ती सेक्रेटरी ऑफ स्टेट वा सेक्रेटरी ऑफ स्टेट इन कावन्सील हाच्यो सेवा-अटी तिका लागू आसतल्यो. तितली मर्यादा सोडून, तिका लुकसाणाचें जायत अशे तरेन बदलपाचो वा फाटीं घेवपाचो अधिकार संसदेक उप-पोटकलम (क) वा उप-पोटकलम (ख) हातूंतले खंयचेय बाबीक लागून प्रदान जाता असो तिचो अर्थ लावचे नात.

(2) पोटकलम (1) हातूंत उल्लेखिल्ल्या व्यक्तींच्या सेवा-अटींचें विनेमन करपाचो खंयच्याय विधीमंडळाक वा हेर प्राधिकरणाक संविधानाचे हेर खंयच्या उपबंधा खाला जो अधिकार आसत तिचेर ह्या अनुच्छेदा खाला संसदेन कायद्या वरवीं उपबंध केल्लो आसत तितली मर्यादा वेगळी करून ह्या अनुच्छेदांतले खंयचेच बाबीक लागून परिणाम जावचो ना.

(3) सर्वोच्च न्यायालयाक वा हेर खंयच्याय न्यायालयाक—

(क) पोटकलम (1) हातूंत उल्लेखिल्ले खंयचेच व्यक्तीची ब्रिटीश राजसत्तेचे खंयचेच भारतीय नागरी सेवेंतली नियुक्ती वा डॉमिनियन ऑफ इण्डियाच्या वा तातूंतल्या प्रांताच्या सरकाराचे अखत्यारे खाला तिची सेवा चालू उरप हाचे संबंदीं तिणें केल्ली वा निश्पादीत केल्ली अशी कसलीच प्रसंविदा, करार वा हेर तत्सम संलेख हाच्या खंयच्याच उपबंधांतल्यान वा ताचे वयल्या खंयच्याच पृश्ठांकनांतल्यान उप्रासपी वा तिका धाडिल्ल्या खंयच्याच पत्रांतल्यान उप्रासपी कसलोय वाद;

(ख) मुळांत जसो अधिनेमीत जालो तसो अनुच्छेद 314 हाचे खाला कसलोय अधिकार, दायित्व वा आबंधन हांच्या संबंदांतलो कसलोय वाद हांच्या संबंदांत अधिकार आसचो ना.

(4) मुळांत जसो अधिनेमीत जालो तसो अनुच्छेद 314 हातूंत वा ह्या संविधानाच्या हेर खंयच्याय उपबंधांत कितेंय आसलें तरी, ह्या अनुच्छेदाचो उपबंध परिणामक जातलो.]

**313. संक्रमण उपबंध.**—हे संबंदांत ह्या संविधाना खाला हेर उपबंध करून जायसर, ह्या संविधानाच्या आरंभाचे निकटपूर्व अंमलांत आशिल्ले आनी ह्या संविधानाच्या आरंभा उपरांत अखील भारतीय सेवा म्हूण वा संघराज्य वा राज्य हांचे अखत्यारे खालचें सेवा वा अधिकारपद म्हूण विद्यमान अशे खंयचेय लोकसेवेक वा कसल्याय अधिकारपदाक लागू आशिल्ले सगले कायदे, जितले मेरेन ते ह्या संविधानाच्या उपबंधां कडेन सुसंगत आसतीत तितले मेरेन अंमलांत उरतले.

**314.** [विशिश्ट सेवांच्या विद्यमान अधिकाऱ्यांच्या संरक्षणा खातीर उपबंध.].—संविधान (अठ्ठाविसावो बदल) अधिनेम, 1972, कलम 3 (29-8-1972 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें.

## प्रकरण II.—लोकसेवा आयोग

**315. संघराज्या खातीर आनी राज्यां खातीर लोकसेवा आयोग.**—(1) ह्या अनुच्छेदाच्या उपबंधांचे अधीनतायेन, संघराज्या खातीर एक लोकसेवा आयोग आनी दर एका राज्या खातीर एक एक लोकसेवा आयोग आसतलो.

(2) दोन वा चड राज्यांक त्या राज्य समुहा खातीर एक लोकसेवा आयोग आसचो अशें एकमतान थारावं येता आनी जर त्या राज्यां मदल्या दर एका राज्याच्या विधीमंडळाच्या सभाघरान वा जंय दोन सभाघरां आसतीत थंय दर एका सभाघरान तशा अर्थाचो थाराव पास केलो जाल्यार संसदेच्यान कायद्या वरवीं त्या राज्यांच्या कामांची गरज भागोवपा खातीर एक संयुक्त लोकसेवा आयोग (ह्या प्रकरणांत संयुक्त आयोग म्हूण उल्लेखिल्लो) नेमपाचो उपबंध करूं येता.

(3) पुर्वोक्त अशा खंयच्याय कायद्यांत, त्या कायद्याचीं प्रयोजनां निभावपा खातीर गरजेचें वा योग्य आसतीत अशे अनुशंगीक आनी परिणामी उपबंध आसपावीत आसूं येता.

(4) संघराज्याच्या लोकसेवा आयोगाक खंयच्याय राज्याच्या राज्यपालान [1]*** तशी विनंती केली जाल्यार, ताका राष्ट्रपतीचे मान्यतायेन त्या राज्यांचीं सगलीं वा तातूंतल्या खंयच्याय कामांची गरज भागोवपाचें कबूल करूं येता.

(5) ह्या संविधानांतल्या संघ लोकसेवा आयोग वा राज्य लोकसेवा आयोग हे संबंदींच्या निर्देशाचो अर्थ, संदर्भाक लागून दुसरे तरेन गरजेचो नासल्यार, विशिश्ट प्रस्तूत बाबीं संबंदीं संघराज्याच्या वा राज्यांच्या, जशें आसत तशें, कामांची गरज भागोवपी आयोगा संबंदींचे निदेश म्हूण लायतले.

**316. वांगड्यांची नियुक्ती आनी अधिकारकाळ.**—(1) लोकसेवा आयोगाचो अध्यक्ष आनी हेर वांगडी हे संघ आयोगा वा संयुक्त आयोगा संबंदीं राष्ट्रपती कडल्यान आनी राज्याच्या आयोगाच्या संबंदांत राज्यपाला कडल्यान नियुक्त जातले:

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "वा राजप्रमूख" हीं उतरां काडलीं.

ताका शर्त अशी कीं, दर एका लोकसेवा आयोगाच्या वांगड्यां मदले जमत तितले मेरेन लागीं लागीं अर्दा इतले वांगडी हे अश्यो व्यक्ती आसतले, जांणी आपाआपणाले नियुक्तींचे तारखेक एक तर भारत सरकाराचे अखत्यारे खाला वा खंयच्याय राज्य सरकाराचे अखत्यारे खाला उणींच तीं धा वर्सां अधिकारपद धारण केल्लें आसतलें आनी उक्त धा वर्सांचो काळ मेजतना खंयच्याय भारतीय संस्थानाच्या सरकाराचे अखत्यारे खाला अधिकारपद धारण केल्लें आसत असो ह्या संविधानाच्या आरंभा पयलींचो खंयचोय काळ आसपावीत करतले.

[1][(1क) आयोगाच्या अध्यक्षाचें अधिकारपद रितें जालां आसत वा आयोगाचो असो खंयचोय अध्यक्ष गैरहाजिरेक लागून वा हेर कसल्याय कारणाक लागून आपणाल्या अधिकारपदाचीं कर्तव्यां करपाक असमर्थ आसत जाल्यार, पोटकलम (1) खाला त्या रित्या अधिकारपदाचेर नियुक्ती जाल्ली कोणूय व्यक्ती त्या अधिकारपदाचीं कर्तव्यां हातांत घे मेरेन वा, अध्यक्ष आपणाल्या कामार परतो रुजू जाय मेरेन, जशें आसा तशें, तीं कर्तव्यां संघ आयोगाच्या वा संयुक्त आयोगाच्या संबंदांत राष्ट्रपती आनी राज्य आयोगाच्या संबंदांत राज्याचो राज्यपाल हेर वांगड्यां मदल्या ज्या कोणाक त्या प्रयोजना खातीर नेमतलो ताचे कडल्यान तीं करप जातलें.]

(2) लोकसेवा आयोगाचो वांगडी, जे तारखेक आपणालें अधिकारपद ग्रहण करतलो तेन्नाच्यान स वर्सांचो काळ वचप वा संघ आयोगाच्या संबंदांत, तो पांसठ वर्सां पिरायेचो जावप आनी राज्य आयोगाच्या वा संयुक्त आयोगाच्या संबदांत, तो [2][बांसठ वर्सां] पिरायेचो जावप हांचे भितरली पयलीं घडटली ते घडणुके मेरेन अधिकारपद धारण करतलो:

ताका शर्त अशी कीं—

(क) लोकसेवा आयोगाच्या वांगड्याच्यान संघ आयोगाच्या वा संयुक्त आयोगाच्या संदर्भांत राष्ट्रपतीक आनी राज्य आयोगाच्या संदर्भांत राज्याच्या राज्यपालाक [3]*** लेखून बरयिल्ल्या स्वाक्षरीत लेखा वरवीं आपणाल्या अधिकारपदाचो राजिनामो दिवं येता;

(ख) लोकसेवा आयोगाच्या वांगड्याक अनुच्छेद 317चें पोटकलम (1) वा पोटकलम (3) हातूंत उपबंध केल्ले रितीन ताच्या अधिकारपदा वयल्यान कडेक काडूं येता.

(3) लोकसेवा आयोगाचो वांगडी म्हूण अधिकारपद धारण करता आसत ती व्यक्ती, तिचो कार्यकाळ सोंपतकच, त्या पदाचेर परतून नियुक्ती जावपाक अपात्र आसतली.

---

[1] संविधान (पंदरावो बदल) अधिनेम, 1963, कलम 11 (5-10-1963 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[2] संविधान (एकेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 2 (7-9-1976 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "साठ वर्सां"चे सुवातेर घालें.

[3] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "वा राजप्रमूख" हीं उतरां काडलीं.

**317. लोकसेवा आयोगाच्या वांगड्याक अधिकारपदा वयल्यान कडेक काडप आनी निलंबीत करप.**—(1) पोटकलम (3)च्या उपबंधांचे अधीनतायेन, लोकसेवा आयोगाचो अध्यक्ष वा हेर खंयचोय वांगडी हांच्या संबंदांत राष्ट्रपतीन सर्वोच्च न्यायालया कडेन निर्देशन केल्या उपरांत त्या न्यायालयान अनुच्छेद 145 खाला ते संबंदांत विहीत केल्या अशे कार्यपद्धती प्रमाणें रीतसर चवकशी चलोवन उपरांत त्या अध्यक्षाक वा जशें आसत तशें, अशा हेर कोणाय वांगड्याक, जशें आसत तशें गैरवागणुकेच्या कारणाक लागून अधिकारपदा वयल्यान कडेक काडूंक जाय असो अभिप्राय दिले उपरांतूच राष्ट्रपतीच्या आदेशा वरवीं अशा कसल्याय कारणाक लागून ताका ताच्या अधिकारपदा वयल्यान कडेक काडटले.

(2) संघराज्य आयोगाच्या वा संयुक्त आयोगाच्या संबंदांत राष्ट्रपतीच्यान आनी राज्य आयोगाच्या संबंदांत राज्यपालाच्यान [1]*** जाचे संबंदीं पोटकलम (1) खाला सर्वोच्च न्यायालया कडेन निर्देशन केल्लें आसत अशा, आयोगाच्या अध्यक्षाक वा हेर कोणाय वांगड्याक, सर्वोच्च न्यायालयाचे अशा निर्देशना वयले अभिप्राय मेळ्ळे उपरांत राष्ट्रपती आदेश दी म्हणिसर ताच्या अधिकारपदा वयल्यान निलंबीत करूं येता.

(3) पोटकलम (1) हातूंत कितेंय आसलें तरी, लोकसेवा आयोगाचो अध्यक्ष वा हेर कोणूय वांगडी जर,—

(क) दिवाळखोर म्हूण अभिनिर्णीत जालो जाल्यार; वा

(ख) आपणाल्या अधिकार काळांत आपणाल्या अधिकारपदाच्या कामा भायर कसलेंय भरपगारी काम करीत जाल्यार; वा

(ग) राष्ट्रपतीच्या मतान मानसीक वा शारिरीक दुर्बळटायेक लागून अधिकारपदाचेर रावपाक अयोग्य आसत जाल्यार,

राष्ट्रपतीच्यान, अध्यक्षाक वा अशा हेर कोणाय वांगड्याक, जशें आसत तशें, आदेशा वरवीं अधिकारपदा वयल्यान कडेक काडूं येता.

(4) खंयचेय निगमीत कम्पनीचो वांगडी म्हूण न्हय आनी ते कम्पनीच्या हेर वांगड्यां सयत न्हय तर हेर तरेन लोकसेवा आयोगाचो अध्यक्ष हेर कोणूय वांगडी, जर भारत सरकारान वा राज्य सरकारान वा ताचे वतीन केल्ले खंयचेय संविदे कडेन वा करारा कडेन कसलेय रितीन संबंदीत वा हितसंबंदीत आसलो वा जालो वा ताच्या फायद्यांत वा तातूंतल्यान उप्रासपी कसल्याय लाभांत वा परिलाभांत खंयचेय रितीन सहभागी जालो जाल्यार पोटकलम (1)च्या प्रयोजना खातीर तो गैरवागणुकेक लागून गुन्यांवकार आसा अशें मानतले.

**318. आयोगाचे वांगडी आनी कर्मचारीवर्ग हांच्या सेवा-अटीं संबंदांत विनेमन करपाचो अधिकार.**—संघ आयोगाच्या वा संयुक्त आयोगाच्या संबंदांत राष्ट्रपतीच्यान आनी राज्य आयोगाच्या संबंदांत, राज्याच्या राज्यपालाच्यान [1]*** विनेमां वरवीं—

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "वा राजप्रमूख" हीं उतरां काडलीं.

(क) आयोगाच्या वांगड्यांची संख्या आनी तांच्यो सेवा-अटी निर्धारीत करूं येतात; आनी

(ख) आयोगाच्या कर्मचारी वर्गाच्या वांगड्यांची संख्या आनी तांच्यो सेवा-अटी हांचे संबंदीं उपबंध करूं येता:

ताका शर्त अशी कीं, लोकसेवा आयोगाच्या वांगड्याच्या सेवा-अटींनी ताका लुकसाणाचो असो बदल ताचे नियुक्ते उपरांत करचे नात.

**319. आयोगाच्या वांगड्यांनी, अशें वांगडीपण सोंपतकूच अधिकारपदां धारण करपाक मनाय.**—अधिकारपद धारण करप सोंपल्या उपरांत—

(क) संघ लोकसेवा आयोगाचो अध्यक्ष हो भारत सरकाराचे अखत्यारे खाला वा राज्य सरकाराचे अखत्यारे खाला ते उपरांत नोकरी करपाक अपात्र आसतलो;

(ख) राज्य लोकसेवा आयोगाचो अध्यक्ष हो संघ लोकसेवा आयोगाचो अध्यक्ष वा हेर कोणूय वांगडी म्हूण वा हेर खंयच्याय राज्य लोकसेवा आयोगाचो अध्यक्ष म्हूण नियुक्त जावपाक पात्र आसतलो, पूण भारत सरकाराचे अखत्यारे खालचे वा राज्य सरकाराचे अखत्यारे खालचे हेर कसलेच नोकरेक पात्र आसचो ना;

(ग) संघ लोकसेवा आयोगाचो अध्यक्ष सोडून हेर कोणूय वांगडी हो संघ लोकसेवा आयोगाचो अध्यक्ष म्हूण वा राज्य लोकसेवा आयोगाचो अध्यक्ष म्हूण नियुक्त जावपाक पात्र आसतलो, पूण भारत सरकाराचे अखत्यारे खालचे वा राज्य सरकाराचे अखत्यारे खालचे हेर कसलेच नोकरेक पात्र आसचो ना;

(घ) राज्य लोकसेवा आयोगाचो अध्यक्ष सोडून हेर कोणूय वांगडी हो संघ लोकसेवा आयोगाचो अध्यक्ष वा हेर कोणूय वांगडी म्हूण वा त्या वा हेर खंयच्याय राज्य लोकसेवा आयोगाचो अध्यक्ष म्हूण नियुक्त जावपाक पात्र आसतलो, पूण भारत सरकाराचे अखत्यारे खालचे वा राज्य सरकाराचे अखत्यारे खालचे हेर कसलेच नोकरेक पात्र आसचो ना.

**320. लोकसेवा आयोगाचे कार्याधिकार.**—(1) संघराज्याच्या सेवांनी आनी राज्याच्या सेवांनी नेमणूक करपा खातीर परिक्षा घेवप हें अनुक्रमान संघ आनी राज्य लोकसेवा आयोगाचें कर्तव्य आसतलें.

(2) खंयच्याय दोन वा चड राज्यांनी तशी विनंती केल्यार, जांचे खातीर खाशेली पात्रताय आशिल्ले उमेदवार गरजेचे आसात अशा खंयच्याय सेवां खातीर संयुक्त भरतेच्यो येवजण्यो तयार करपाच्या वा त्यो अंमलांत हाडपाच्या कामांत त्या राज्यांक पालव दिवप हेंय संघ लोकसेवा आयोगाचें कर्तव्य आसतलें.

(3) संघ लोकसेवा आयोग वा राज्य लोकसेवा आयोग, जशें आसत तशें, हांचे कडच्यान—

(क) नागरी सेवांनी आनी नागरी अधिकारपदांचेर भरती करपाचे पद्धती संबंदींच्या सगल्या बाबीं विशीं;

(ख) नागरी सेवांनी आनी अधिकारपदांचेर नियुक्ती करतना आनी बडट्यो दितना आनी एके सेवेंतल्यान दुसरे सेवेंत बदल्यो करतना आपणावपाच्या तत्वां विशीं आनी अश्यो नियुक्त्यो, बडट्यो वा बदल्यो हांच्या प्रयोजनां खातीर उमेदवारांच्या योग्यतायां विशीं;

(ग) भारत सरकार वा राज्य सरकार हांचे अखत्यारे खालच्या नागरी हुद्द्याचेर सेवा करपी व्यक्तीक लागू जावपी शिस्ती विशींच्या सगल्या बाबीं संबंदांत, अश्या बाबींचीं विज्ञापनां आनी विनंती अर्ज हांचे सयत;

(घ) भारत सरकार वा राज्य सरकार हांचे अखत्यारे खाला नागरी हुद्द्याचेर जी व्यक्ती सेवा करता वा भारतांत वा भारतीय संस्थानांच्या सरकाराचे अखत्यारे खाला नागरी हुद्द्याचेर जी व्यक्ती सेवा करता वा जिणें सेवा केल्या तिणें आपणालें कर्तव्य निभायतना केल्ले वा ते खातीर म्हूण केल्ले कृती संबंदांत तिचे आड दाखल केल्ले कसलेय वैध कार्यवाहेंत बचाव दिवपा खातीर तिका आयिल्लो कसलोय खर्च, भारताच्या एकवटीत निधींतल्यान वा, राज्याच्या एकवटीत निधींतल्यान, जशें आसत तशें, दिवचो अशी तिणें वा तिचे संबंदीं जी कसलीय मागणी केल्ली आसत तिचे विशीं;

(ङ) भारत सरकार वा राज्य सरकार हांचे अखत्यारे खाला वा ब्रिटीश राजसत्तेचे अखत्यारे खाला भारतांत वा भारतीय संस्थानाच्या सरकाराचे अखत्यारे खाला नागरी हुद्द्याचेर सेवा करता आसतना कोणेय व्यक्तीक जाल्ल्या लुकसाणा संबंदीं पॅन्शन दिवपा संबंदांत केल्ले कसलेय मागणे विशीं आनी अशे तरेन दिवपाचे कसलेय रकमे विशींच्या कसल्याय प्रस्ना संबंदीं संघ लोकसेवा आयोगाचो वा, राज्य लोकसेवा आयोगाचो, वा जशें आसत तशें, विचार घेतले,

आनी लोकसेवा आयोगा कडेन अशे तरेन निर्देशिल्ले कसलेय बाबीचेर आनी राष्ट्रपती वा त्या राज्याचो राज्यपाल जशें आसत तशें, [1]*** ताचे कडेन निर्देशीत करतलो अशे हेर खंयचेय बाबीचेर, सल्लो दिवप हें ताचें कर्तव्य आसतलें:

ताका शर्त अशी कीं, अखील भारतीय सेवां संबंदीं आनी संघराज्याच्या कारभारा कडेन संबंदीत हेर सेवा आनी अधिकारपदां हांचेय संबंदांत राष्ट्रपतीच्यान आनी राज्याच्या कारभारा कडेन राज्यपालाच्यान चड अधिकार वापरूं येतात असो उपबंध करूं येता. हेर संबंदीत सेवा आनी अधिकारपदां हांचे संबंदीं राज्यपालाच्यान [2]*** खंयच्याय बाबींचेर सर्वसादारणपणान वा खाशेल्या वर्गांतल्या प्रकरणांत वा खंयचेय खाशेले परिस्थितींत लोकसेवा आयोगाचो विचार घेवपाची गरज आसची ना ते विनिर्दिश्ट करपी विनेम करूं येतात.

(4) अनुच्छेद 16च्या पोटकलम (4) हातूंत निर्दिश्ट केल्लो कसलोय उपबंध कशे रितीन करूं येता ते संबंदीं अनुच्छेद 335चो उपबंध कशे रितीन परिणामक करूं येता ते संबंदांत लोकसेवा आयोगाचो विचार घेवप पोटकलम (3) हातूंतले खंयचेच बाबीक लागून गरजेचें जावचें ना.

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "वा राजप्रमूख" हीं उतरां काडलीं.

[2] कित्तो- कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "वा राजप्रमूख, जशें आसत तशें" हीं उतरां काडलीं.

(5) पोटकलम (3)च्या परंतुका खाला राष्ट्रपतीन वा राज्याच्या राज्यपालान [1]*** केल्ले सगले विनेम, ते केल्या उपरांत जाता तितले बेगीन, जशें आसत तशें, संसदेच्या दर एका सभाघरा मुखार वा राज्य विधीमंडळाच्या सभाघरा मुखार वा दर एका सभाघरा मुखार उण्याच त्या चवदा दिसां भितर दवरतले, आनी ज्या सत्रांत ते अशे तरेन दवरिल्ले आसतीत त्या काळांत संसदेचीं दोनूय सभाघरां वा त्या राज्याच्या विधीमंडळाचें सभाघर वा दोनूय सभाघरां निरसनाच्या रुपान वा बदलाच्या रुपान तातूंत जे आपरिवर्तन करतलीं तांकां ते विनेम अधीन आसतले.

**321. लोकसेवा आयोगांचे कार्याधिकार विस्तारावपाचो अधिकार.**—संसदेन वा राज्य विधीमंडळान, जशें आसत तशें, केल्ल्या अधिनेमां वरवीं संघराज्याच्या वा राज्यांच्या सेवा संबंदीं आनी खंयच्याय थळाव्या प्राधिकरणा वरवीं वा कायद्या वरवीं घडयिल्ल्या हेर निगम निकायाच्या वा खंयचेय भौशीक संस्थेच्या सेवां संबंदीं संघ लोकसेवा आयोगाच्यान वा राज्य लोकसेवा आयोगाच्यान चड कार्याधिकार वापरचे हे खातीर उपबंध करूं येता.

**322. लोकसेवा आयोगांचो खर्च.**—संघ वा राज्य लोकसेवा आयोग हांचो खर्च, आयोगाच्या वांगड्यांक वा कर्मचारीवर्गाक वा तांचे संबंदीं दिवपाचे कसलेय पगार, भत्ते आनी पॅन्शनां धरून, भारताच्या एकवटीत निधीचेर वा राज्याच्या एकवटीत निधीचेर, जशें आसत तशें, प्रभारीत करतले.

**323. लोकसेवा आयोगांचे अहवाल.**—(1) दर वर्सा राष्ट्रपतीक संघ लोकसेवा आयोगान केल्ल्या वावराचो अहवाल सादर करप हें त्या आयोगाचें कर्तव्य आसतलें आनी तो मेळटकूच आयोगाचो सल्लो ज्या बाबींनी स्विकारूंक नाशिल्लो अशीं प्रकरणां आसल्यार तांचे संबंदांत अश्या अस्विकाराचीं कारणां स्पश्ट करपी निवेदना सयत अहवालाची एक प्रत राष्ट्रपती संसदेच्या दर एका सभाघरा मुखार दवरूंक लायतलो.

(2) दर वर्सा राज्याच्या राज्यपालाक [1]*** राज्य आयोगान केल्ल्या वावराचो अहवाल सादर करप हें त्या आयोगाचें कर्तव्य आसतलें आनी संयुक्त आयोगान ज्या राज्यांच्या वावराची गरज पुराय केल्या आसत तांचे मदल्या दर एका राज्याच्या राज्यपालाक [1]*** त्या राज्याच्या संबंदांत, तो मेळटकूच, आयोगाचो सल्लो ज्या बाबींनी स्विकारूंक नाशिल्लो अशीं प्रकरणां आसल्यार तांचे संबंदांत अश्या अस्विकाराचीं कारणां स्पश्ट करपी निवेदना सयत अश्या अहवालाची एक प्रत राज्यपाल [2]*** राज्याच्या विधीमंडळा मुखार दवरूंक लायतलो.

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "वा राजप्रमूख" हीं उतरां काडलीं.

[2] कित्तो- कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "वा राजप्रमूख, जशें आसत तशें" हीं उतरां काडलीं

# [1][भाग XIVक
# अधिकरणां

**323क. प्रशासकी अधिकरणां.**—(1) संघराज्याच्या वा भारताच्या राज्यक्षेत्रांतल्या वा भारत सरकाराच्या नियंत्रणा खालच्या खंयच्याय राज्याचे वा खंयच्याय थळाव्या वा हेर प्राधिकरणाचे वा सरकाराचे मालकेच्या वा ताणें नियंत्रीत केल्ल्या खंयच्याय म्हामंडळाच्या कारभारा संबंदांतल्या लोकसेवा वा अधिकारपदां हांचेर नेमणूक केल्ल्या व्यक्तींची भरती आनी सेवा-अटी हांचे संबंदींचीं किजिलां वा कागाळी हांचो अभिनिर्णय वा संपरिक्षा प्रशासकी अधिकरणां मार्फत जावचो हे खातीर संसदेच्यान कायद्या वरवीं उपबंध करूं येतात.

(2) पोटकलम (1)चे अधीन केल्ल्या कायद्या वरवीं—

(क) संघराज्या खातीर एका प्रशासकी अधिकरणाची आनी दर एका राज्या खातीर वा दोन वा चड राज्यां खातीर एका वेगळ्या प्रशासकी अधिकरणाची स्थापना करपा खातीर उपबंध करूं येता;

(ख) उक्त अधिकरणां मदीं दर एकाच्यान वापरूं येता अशी अधिकारिताय, अधिकार (अवमाना खातीरची ख्यास्त करपाच्या अधिकारा सयत) आनी प्राधिकार विनिर्दिश्ट करूं येतात;

(ग) उक्त अधिकरणांनी आपणावपाचे कार्यपद्दती संबंदीं (मुजत आनी पुराव्याचे नेम हांचे संबंदींच्या उपबंधां सयत) उपबंध करूं येता;

(घ) पोटकलम (1) हातूंत उल्लेखिल्ले तंटे वा कागाळी हांचे संबंदीं, अनुच्छेद 136 खालची सर्वोच्च न्यायालयाची अधिकारिताय सोडून, हेर सगल्या न्यायालयांची अधिकारिताय वर्जीत करूं येता;

(ङ) अश्या अधिकरणाचे स्थापनेचे निकटपूर्व खंयच्याय न्यायालया मुखार वा हेर प्राधिकरणां मुखार प्रलंबीत आशिल्ले दावे वा कार्यवाही जांचेर आदारिल्ल्यो आसात तीं वादकारणां अशे स्थापने उपरांत उप्राशिल्लीं आशिल्लीं जाल्यार अशे दावे वा कार्यवाही अश्या अधिकरणांचे अधिकारितायेंत येतली आशिल्ली अश्या बाबींनी, अशीं कसलींय प्रकरणां अश्या दर एका प्रशासकी अधिकरणा कडेन वर्ग करपा खातीर उपबंध करूं येता;

(च) अनुच्छेद 371घ च्या पोटकलम (3) खाला राष्ट्रपतीन केल्लो खंयचोय आदेश निरसीत करूं येता वा बदलूं येता;

(छ) अश्या अधिकरणांचें कार्य परिणामकारक रितीन चलचें आनी तांकां बेगीन प्रकरणां निकालांत काडूंक मेळचीं आनी ताच्या आदेशांची अंमलबजावणी जावची हे खातीर संसदेक गरजेच्यो दिसतीत अश्यो पुरक, अनुशंगीक आनी परिणामी तरतुदी (फी संबंदींच्या तरतुदीं सयत) आसपावीत आसूं येतात.

[1] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 46 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

(3) ह्या संविधानाच्या हेर खंयच्याय उपबंधांत वा त्या-त्या काळांत लागू आशिल्ल्या हेर खंयच्याय कायद्यांत कितेंय आसलें तरी, ह्या अनुच्छेदाचो उपबंध परिणामक जातल्यो.

**323ख. हेर बाबीं खातीर अधिकरणां.**—(1) पोटकलम (2) हातूंत विनिर्दिश्ट केल्ल्या ज्या बाबींच्या संबंदांत कायदे करपाचो समुचीत विधीमंडळाक अधिकार आसतलो त्यो सगल्यो वा तांचे भितरल्या खंयच्याय बाबींच्या संबंदांतले कसलेय तंटे, कागाळी वा गुन्यांव हांचो अधिकरणां कडल्यान अभिनिर्णय वा संपरिक्षा जावची हे खातीर अश्या विधीमंडळाच्यान कायद्या वरवीं उपबंध करूं येता.

(2) पोटकलम (1) हातूंत उल्लेखिल्ल्यो बाबी फुडें दिल्यात ते प्रमाणें आसात त्यो अश्यो:—

(क) कसलोय कर लावप, तो निर्धारीत करप, ताची उगराणी करप आनी सक्तीची वसुली करप;

(ख) परकी चलन, शिमे शुल्क – शिमे वयल्यान आयात आनी निर्यात;

(ग) उद्देगीक आनी कामगारां संबंदीं तंटे;

(घ) अनुच्छेद 31क हातूंत व्याख्या केल्या ते प्रमाणें कसलेय संपदेचें वा तातूंतल्या कसल्याय अधिकारांचें राज्यान संपादन करप वा असले कसलेय अधिकार ना करप वा तातूंत आपरिवर्तन करप हांचे वरवीं वा शेतजमनीचेर कमाल मर्यादा हाडून ताचे वरवीं वा हेर खंयच्याय मार्गान जमनी संबंदीं सुदारणा;

(ङ) नागरी संपत्ती वयली कमाल मर्यादा;

(च) संसदेच्या दोनां मदल्या खंयच्याय सभाघराच्यो वा राज्य विधीमंडळाच्या सभाघराच्यो वा दोनां मदल्या खंयच्याय सभाघराच्यो वेंचणुको - मात अनुच्छेद 329 आनी अनुच्छेद 329क हातूंत निर्देशीत केल्ल्यो बाबी वगळून;

(छ) अन्नसामग्री (गळिताचो वरवगोटो आनी खाद्य तेलां धरून) आनी जाहीर अधिसुचोवणे वरवीं ह्या अनुच्छेदांच्या प्रयोजना खातीर चड गरजेचे जिनस म्हूण राष्ट्रपती घोशीत करतलो अशे हेर जिनस हांचें उत्पादन, प्रापण, पुरवण आनी वितरण तशेंच अश्या जिनसांच्या दरांचें नियंत्रण;

[1][(ज) भाडें, ताची बांदावणी आनी नियंत्रण आनी कुळांचे प्रस्न, जातूंत जमीन मालक आनी कुळांचे हक्क, अधिकार आनी हीत आसपावतलें;]

[2][(झ] उप-पोटकलम (क) ते [3][(छ)] हातूंत विनिर्दिश्ट केल्ल्यां मदल्या कसल्याय बाबींच्या संबंदांतल्या कायद्यांच्या विरोधी गुन्यांव आनी तांचे मदले कसलेय बाबीच्या संबंदांतली फी;

---

[1] संविधान (पंच्यात्तरावो बदल) अधिनेम, 1993, कलम 2 (15-5-1994 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[2] कित्तो- कलम 2 (15-5-1994 हे तारखे सावन लागू) वरवीं उप-पोटकलम "(ज)" हें उप-पोटकलम (झ) अशें फेरअक्षरीकृत केलें.

[3] कित्तो- कलम 2 (15-5-1994 हे तारखे सावन लागू) वरवीं कंस आनी अक्षर "(छ)" हे सुवातेर घालें.

[1][(ञ)] उप-पोटकलम (क) ते [2][(झ)] हातूंत विनिर्दिश्ट केल्ल्यां मदले खंयचेय बाबीक अनुशंगीक आशिल्ली कसलीय बाब.

(3) पोटकलम (1) खाला केल्ल्या कायद्यांत—

(क) क्रमवर्धी अधिकार श्रेणींतलीं अधिकरणां स्थापन करपा खातीर उपबंध करूं येता;

(ख) उक्त अधिकरणां मदीं दर एकल्याच्यान वापरूं येता अशी अधिकारिताय, अधिकार (अवमाना खातीर ख्यास्त करपाच्या अधिकारा सयत) आनी प्राधिकार विनिर्दिश्ट करूं येतात;

(ग) उक्त अधिकरणांनी आपणावपाचे कार्यपद्दती संबंदीं (मुजत आनी पुराव्याचे नेम हांचे संबंदींच्या उपबंधां सयत) उपबंध करूं येता;

(घ) उक्त अधिकरणांचे अधिकारितायेंत येवपी सगल्या वा तांचे मदले खंयचेय बाबी संबंदीं, अनुच्छेद 136 खालची सर्वोच्च न्यायालयाची अधिकारिताय सोडून, सगल्या न्यायालयांची अधिकारिताय वर्जीत करूं येता;

(ङ) अश्या अधिकरणाचे स्थापनेचे निकटपूर्व खंयच्याय न्यायालया मुखार वा हेर खंयच्याय प्राधिकरणा मुखार प्रलंबीत आशिल्ले दावे वा कार्यवाही जांचेर आदारिल्लीं आसात तीं वादकारणां अशे स्थापने उपरांत उप्राशिल्लीं जाल्यार अशे दावे वा कार्यवाही अश्या अधिकरणाचे अधिकारितायेंत येतल्यो आशिल्ल्यो अश्या बाबींनी, अशीं कसलींय प्रकरणां अश्या दर एका अधिकरणा कडेन वर्ग करपा खातीर उपबंध करूं येता;

(च) अश्या अधिकरणांचो वावर परिणामकारक रितीन चलचो, आनी तांकां बेगीन प्रकरणां निकालांत काडूंक मेळचीं, आनी तांच्या आदेशांची अंमलबजावणी जावची हे खातीर समुचीत विधीमंडळाक गरजेचे दिसतीत अशे पुरक, अनुशंगीक आनी परिणामी तरतुदी (फी संबंदींच्या तरतुदीं सयत) आसपावीत आसूं येतात.

(4) ह्या संविधानाच्या हेर खंयच्या उपबंधांत वा त्या-त्या काळांत अस्तित्वांत आशिल्ल्या हेर खंयच्याय कायद्यांत कितेंय आसलें तरी ह्या अनुच्छेदाचो उपबंध परिणामक जातलो.

*फोडणिशी.*—ह्या अनुच्छेदांत, खंयचेय बाबीच्या संबंदांतलें "समुचीत विधीमंडळ" ह्या उतरांचो अर्थ, भाग XI हांच्या उपबंधां प्रमाणें अश्या बाबीं संबंदीं कायदे करपाचो अधिकार आशिल्ली संसद वा अशें खंयचेंय राज्य विधीमंडळ, जशें आसत तशें, असो आसा.]

---

[1] संविधान (पंच्यात्तरावो बदल) अधिनेम, 1993, कलम 2 (15-5-1994 हे तारखे सावन लागू) वरवीं उप-पोटकलम (झ) हें उप-पोटकलम (ञ) अशें फेरअक्षरीकृत केलें.

[2] कित्तो- कलम 2 (15-5-1994 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "(ज)" हे सुवातेर घालें.

# भाग XV
# वेंचणुको

**324. वेंचणुकां संबंदीं देखरेख, मार्गदर्शन आनी नियंत्रण करपाचो अधिकार वेंचणूक आयोगा कडेन निहीत आसप.**—(1) ह्या संविधाना खाला घेवपाच्या संसदेच्या आनी दर एका राज्याच्या विधीमंडळाच्या सगल्या वेंचणुकां खातीर मतदार वळेऱ्यो तयार करप आनी त्या वेंचणुकांचें आनी राष्ट्रपती तशेंच उप-राष्ट्रपती हांच्या अधिकारपदांच्या वेंचणुकांचें संचालन करप ह्या कामांचेर देखरेख, मार्गदर्शन आनी नियंत्रण करपाचो [1]*** अधिकार (ह्या संविधानांत वेंचणूक आयोग म्हूण निर्दिश्ट केल्ल्या) एका आयोगा कडेन निहीत आसतलो.

(2) वेंचणूक आयोग हो मुख्य वेंचणूक आयुक्त, आनी राष्ट्रपतीन वेळावेळार खंयचीय संख्या निश्चीत केल्या तितले हेर वेंचणूक आयुक्त मेळून घडिल्लो आसतलो, आनी मुख्य वेंचणूक आयुक्त आनी हेर वेंचणूक आयुक्त हांची नेमणूक, संसदेन त्या संबंदांत केल्ल्या खंयच्याय कायद्याच्या उपबंधांचे अधीनतायेन, राष्ट्रपती कडल्यान जातली.

(3) जेन्ना हे भशेन हेर वेंचणूक आयुक्त नियुक्त करतले तेन्ना, मुख्य वेंचणूक आयुक्त हो वेंचणूक आयोगाचो अध्यक्ष म्हूण कार्य करतलो.

(4) लोकसभा आनी दर एका राज्याची विधानसभा हांचे दर एके सार्वत्रीक वेंचणुके पयलीं, आनी विधान परिशद आसपी दर एका राज्याचे विधान परिशदेचे पयले सार्वत्रीक वेंचणुके पयलीं आनी ताचे उपरांत तिचे दर एके दोन वर्सुकी वेंचणुके पयलीं वेंचणूक आयोगाचो विचार घेतले उपरांत राष्ट्रपतीक स्वताक गरजेचे दिसतीत अशे प्रादेशीक आयुक्तूय पोटकलम (1) वरवीं वेंचणूक आयोगाक प्रदान केल्ले कार्याधिकार वापरपाच्या कामांत आयोगाक सहाय्य करपा खातीर नेमूं येतात.

(5) संसदेन केल्ल्या खंयच्याय कायद्याच्या उपबंधांचे अधीनतायेन, वेंचणूक आयुक्त आनी प्रादेशीक आयुक्त हांच्यो सेवा-अटी आनी कार्यकाळ हे राष्ट्रपती नेमां वरवीं निर्धारीत करतलो ते प्रमाणें आसतले:

ताका शर्त अशी कीं, सर्वोच्च न्यायालयाच्या न्यायाधिशाक जशे रितीन अधिकार पदा वयल्यान कडेक काडटात तशीच रीत आपणायले बगर आनी तश्याच तरांचीं कारणां आसले बगर मुख्य वेंचणूक आयुक्ताक ताच्या अधिकारपदा वयल्यान कडेक काडचे नात, आनी मुख्य वेंचणूक आयुक्ताच्या सेवा-अटींनी ताका लुकसाणाचो जायत असो बदल ताचे नेमणुके उपरांत करचे नात:

---

[1] संविधान (एकोणिसावो बदल) अधिनेम, 1966, कलम 2 (11-12-1966 हे तारखे सावन लागू) वरवीं “संसदेच्या आनी राज्यांच्या विधीमंडळांच्या वेंचणुकांतल्यान उप्रासपी वा तांचे कडेन संबंदीत आसपी दुबावाचे मुद्दे आनी तंटे हांचो निर्णय करपा खातीर वेंचणूक अधिकरणाची नेमणूक करप हांचे सयत” हीं उतरां काडलीं.

ताका शर्त अशी कीं, मुख्य वेंचणूक आयुक्ताची शिफारस आसले बगर, हेर खंयच्याच वेंचणूक आयुक्ताक वा प्रादेशीक आयुक्ताक अधिकार पदा वयल्यान कडेक काडचे नात.

(6) राष्ट्रपती वा राज्याचो राज्यपाल [1]*** वेंचणूक आयोगा कडल्यान ताका तशी विनंती येत तेन्ना, पोटकलम (1) वरवीं वेंचणूक आयोगाक प्रदान केल्ले कार्याधिकार वापरपा खातीर गरजेचो आसत असो कर्मचारी वर्ग वेंचणूक आयोगाक वा प्रादेशीक आयुक्ताक मेळोवन दितलो.

**325. कोणूय व्यक्ती, धर्म, वंश, जात वा लिंग ह्या कारणां वयल्यान मतदार वळेरेंत आसपावीत जावपाक अपात्र आसची ना वा खाशेले मतदार वेळेरेंत आपणाक आसपावीत करपाची मागणी करूंक तिका मेळची ना.**—संसदेच्या दोनां मदल्या खंयच्याय सभाघराचे वा राज्य विधीमंडळाच्या सभाघराचे वा दोनां मदल्या खंयच्याय सभाघराचे वेंचणुके खातीर दर एका क्षेत्रीय मतदारसंघा खातीर एक सर्वसादारण मतदार वळेरी आसतली आनी कोणूय व्यक्ती फकत धर्म, वंश, जात, लिंग वा हांचे मदल्या खंयच्याच कारणा वयल्यान अशे खंयचेय मतदार वळेरेंत आसपावीत जावपाक अपात्र आसची ना वा तिका अशा खंयच्याच मतदारसंघा खातीर आशिल्ले खंयचेच खाशेले मतदार वेळेरेंत आपणाक आसपावीत करचें अशी मागणी करूंक मेळची ना.

**326. लोकसभा आनी राज्यांच्यो विधानसभा हांच्यो वेंचणुको प्रौढ मताधिकाराच्या तत्वाचेर जावप.**—लोकसभेच्यो आनी दर एका राज्याचे विधानसभेच्यो वेंचणुको प्रौढ मताधिकाराच्या तत्वाचेर जातल्यो, म्हणल्यार जी जी व्यक्ती भारताचो नागरीक आसा आनी समुचीत विधीमंडळान केल्ल्या खंयच्याय कायद्या वरवीं वा ताचे खाला ते संबंदांत निश्चीत करतले अशे तारखेक [2][अठरा वर्सां] परस उणे पिरायेची ना आनी ह्या संविधाना खाला वा समुचीत विधीमंडळान केल्ल्या खंयच्याय कायद्या खाला अनिवास, मनाची विकलताय, गुन्यांव वा भ्रश्ट वा अवैध वागणूक ह्या कारणा वयल्यान हेर तरेन अपात्र थारूंक ना अशी दर एक व्यक्ती अशे खंयचेय वेंचणुकेंत मतदार म्हूण नोंद जावंक हक्कदार आसतली.

**327. संसदेचो विधीमंडळाच्या वेंचणुकां संबंदीं उपबंध करपाचो अधिकार.**—ह्या संविधानाच्या उपबंधांचे अधीनतायेन, संसदेच्या खंयच्याय सभाघराच्या वा राज्य विधीमंडळाच्या सभाघराच्या वा दोनां मदल्या खंयच्याय सभाघराच्या वेंचणुकां संबंदींच्या सगळ्या बाबीं विशीं वा तांचे संबंदांत – मतदार वळेरी तयार करप, वेंचणूक क्षेत्रांचें परिसीमन करप आनी अशें सभाघर वा अशीं सभाघरां रितसर घडीत जावचीं हे खातीर गरजेच्यो आशिल्ल्यो हेर सगल्यो बाबी धरून संसदेच्यान वेळावेळार कायद्या वरवीं उपबंध करूं येता.

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "वा राजप्रमूख" हीं उतरां काडलीं.

[2] संविधान (एकसठावो बदल) अधिनेम, 1988, कलम 2 (28-3-1989 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "एकवीस वर्सां" हे सुवातेर घालें.

**328. राज्य विधीमंडळाचो अश्या विधीमंडळाच्या वेंचणुकां संबंदांत उपबंध करपाचो अधिकार.**—संविधानाच्या उपबंधांचे अधीनतायेन आनी संसदेन ते संबंदांत उपबंध केल्लो नासत तितले मर्यादे मेरेन, राज्य विधीमंडळाच्या सभाघरांच्या वा दोनां मदल्या खंयच्याय सभाघराच्या वेंचणुकां संबंदांतल्या सगल्या बाबीं विशीं वा तांचे संबंदांत तशेंच मतदार वळेरी तयार करप आनी अशें सभाघर वा अशीं सभाघरां रितसर घडीत जावचीं हे खातीर गरजेच्यो आशिल्ल्यो सगल्यो बाबी धरून त्या राज्याच्या विधीमंडळाच्यान वेळावेळार कायद्या वरवीं उपबंध करूं येता.

**329. वेंचणुकां संबंदींच्या बाबींनी हस्तक्षेप करपाक न्यायालयांक आडखळ.**—[1][ह्या संविधानांत कितेंय आसलें तरी [2]***—]

(क) मतदारसंघांचें परिसीमन वा अश्या मतदारसंघां मदीं सुवातांचें वांटप हांचे संबंदीं अनुच्छेद 327 वा अनुच्छेद 328 खाला केल्ल्या वा ते खाला केल्ल्याचो दावो आशिल्ल्या खंयच्याय कायद्यांची विधीग्राह्यताय खंयच्याच न्यायालयांत प्रस्नास्पद करूंक मेळची ना;

(ख) संसदेच्या दोनां मदल्या खंयच्याय सभाघराची वा राज्य विधीमंडळाच्या सभाघराची वा दोनां मदल्या खंयच्याय सभाघराची वेंचणूक समुचीत विधीमंडळान केल्ल्या खंयच्याय कायद्या वरवीं वा ते खाला उपबंधीत करतले अश्या प्राधिकरणाक आनी अशे रितीन वेंचणूक कागाळ अर्ज सादर केल्या बगर प्रस्नास्पद करूंक मेळची ना.

[3]**329क.** [*प्रधानमंत्री आनी लोकसभा अध्यक्ष हांचे संबंदांत संसदे खातीर वेंचणुकांच्या संदर्भांत खाशेलो उपबंध.*].—*संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम*, 1978, *कलम* 36 (20–06-1979 *हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें.*

---

[1] संविधान (एकोणचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1975, कलम 3 (10-08-1975 हे तारखे सावन लागू) वरवीं विशिश्ट उतरांचे सुवातेर घालें.

[2] संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 35 (20-06-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "परंतू अनुच्छेद 329क च्या उपबंधाचे अधीनतायेन" हीं उतरां, आंकडे आनी अक्षर काडलें.

[3] संविधान (एकोणचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1975, कलम 4 (10-08-1975 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

# भाग XVI

# थोड्या वर्गां संबंदीं खाशेले उपबंध

**330. लोकसभेंत अनुसुचीत जाती आनी अनुसुचीत जमाती हांचे खातीर सुवातांचें आरक्षण**.—(1) लोकसभेंत सकयल दिल्ल्या बाबीं खातीर सुवातो आरक्षीत दवरतले—

(क) अनुसुचीत जाती;

[1][(ख) आसामाच्या स्वायत्त जिल्ल्यांतल्यो अनुसुचीत जमाती सोडून हेर अनुसुचीत जमाती; आनी]

(ग) आसामाच्या स्वायत्त जिल्ल्यांतल्यो अनुसुचीत जमाती हांचे खातीर सुवातो राखून दवरतले.

(2) जाचे संबंदांत पोटकलम (1) खाला अनुसुचीत जाती वा अनुसुचीत जनजाती हांचे खातीर सुवातो राखून दवरल्यात अशें खंयचेंय राज्य [2][वा केंद्रशासीत प्रदेश] जशें आसत तशें, हांचे मदल्या अनुसुचीत जातींचे वा अशें राज्य [2][वा केंद्रशासीत प्रदेश] वा अश्या राज्याचो [2][वा केंद्रशासीत प्रदेशाचो] भाग हांचे मदल्या जनजातींचे लोकसंख्येचें त्या राज्याचे [2][वा केंद्रशासीत प्रदेशाचे] वट्ट लोकसंख्ये कडेन जितलें प्रमाण आसत तितलेंच लागीं लागीं, त्या राज्यांत [2][वा केंद्रशासीत प्रदेशांत] अशे तरेन राखून दवरिल्ल्या सुवातांचे संख्येचें लोकसभेंत त्या राज्याक [2][वा केंद्रशासीत प्रदेशाक] नेमून दिल्ल्या सुवातांचें वट्ट लोकसंख्ये कडेन प्रमाण आसतलें.

[3][(3) पोटकलम (2) हातूंत कितेंय आसपावीत आसलें तरी, आसामाच्या स्वायत्त जिल्ल्यांतल्या अनुसुचीत जनजातीं खातीर लोकसभेंत राखून दवरिल्ल्या सुवातांचे संख्येचें त्या राज्याक नेमून दिल्ल्या सुवातांचे एकंदर संख्ये कडेन आसपाचें प्रमाण हें उण्यांत उणें उक्त स्वायत्त जिल्ल्यांतल्या अनुसुचीत जनजातींचे लोकसंख्येच्या त्या राज्याचे एकंदर लोकसंख्ये कडेन आशिल्ल्या प्रमाणा इतलें आसतलें.]

[4][*फोडणिशी*.—ह्या अनुच्छेद 332त "लोकसंख्या" ह्या उतराचो अर्थ, जे जनगणनेची सबंद आंकडेवारी उजवाडा आयल्या अशे निकटपूर्व जनगणनेंत अदमाशिल्ली लोकसंख्या असो आसा.

ताका शर्त अशी कीं, हे *फोडणिशेंतले* जे जनगणनेची सबंद आंकडेवारी उजवाडा आयल्या अशी निकटपूर्व जनगणना ह्या उल्लेखाचो अर्थ, सन [5][2026] उपरांत जावपा आशिल्ले पयले जनगणनेची सबंद आंकडेवारी उजवाडा येसर [6][2001] वर्साचे जनगणनेचो उल्लेख असो लायतले.]

---

[1] संविधान (एकावनावो बदल), अधिनेम, 1984, कलम 2 (16-6-1986 हे तारखे सावन लागू) वरवीं उप-पोटकलम (ख) हे सुवातेर घालें.

[2] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[3] संविधान (एकतिसावो बदल) अधिनेम, 1973, कलम 3 (17-10-1973 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[4] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 47 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[5] संविधान (चवद्यांयश्यांवो बदल), अधिनेम, 2001, कलम 6 (21-2-2002 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "2000" हे सुवातेर घालें.

[6] संविधान (सत्त्यांयश्यांवो बदल), अधिनेम, 2003, कलम 5 (22-6-2003 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "1991" हे सुवातेर घालें.

[1][**330क. लोकसभेंत बायलां खातीर सुवातांचें आरक्षण.**—

(1) लोकसभेंत बायलां खातीर सुवातो आरक्षीत दवरतले.

(2) अनुच्छेद 330च्या पोटकलम (2) खाला आरक्षीत दवरिल्ल्या सुवातांचे वट्ट संख्येंतल्यो, जमत तितल्यो, एक-तृतियांश सुवातो, अनुसुचीत जातींतल्या वा अनुसुचीत जमातींतल्या बायलां खातीर आरक्षीत दवरतले.

(3) लोकसभेचे थेट वेंचणुके वरवीं भरपाच्यो सुवातो वट्ट संख्येंतल्यो (अनुसुचीत जातींतल्या वा अनुसुचीत जमातींतल्या बायलां खातीर आरक्षीत आशिल्ल्या सुवातांचे संख्ये सयत), जमत तितल्यो, एक-तृतियांश सुवातो, बायलां खातीर आरक्षीत दवरतले.]

**331. लोकसभेंत आंग्ल-भारतीय समाजाचें प्रतिनिधित्व.**—अनुच्छेद 81 हातूंत कितेंय आसलें तरी, जर आंग्ल-भारतीय समाजाक लोकसभेंत फावोशें प्रतिनिधित्व मेळ्ळें ना अशें राष्ट्रपतीचें मत आसलें जाल्यार, ताच्यान त्या समाजाचे चडांत चड म्हणल्यार दोन वांगडी लोकसभेचेर नामनिर्देशीत करूं येतात.

**332. राज्यांच्या विधानसभांनी अनुसुचीत जाती आनी अनुसुचीत जमाती हांचे खातीर सुवातो राखून दवरप.**—(1) अनुसुचीत जाती आनी [2][आसामाच्या जमात क्षेत्रांतल्यो अनुसुचीत जमाती सोडून] अनुसुचीत जनजातीं खातीर [3]*** दर एका राज्याचे विधानसभेंत सुवात राखून दवरतले.

(2) आसाम राज्याचे विधानसभेंत स्वायत्त जिल्ल्या खातीर सुवातो राखून दवरतले.

(3) जांचे संबंदान पोटकलम (1) खाला अनुसुचीत जाती आनी अनुसुचीत जमाती हांचे खातीर सुवातो राखून दवरल्यात अश्या, खंयच्याय राज्यांतले अनुसुचीत जातींचे वा, अश्या राज्यांतल्या वा राज्याच्या भागांतले अनुसुचीत जमातीचे लोकसंख्येचें जशें आसत तशें, त्या राज्याचे वट्ट लोकसंख्ये कडेन जें प्रमाण आसतलें तितलेंच लागीं लागीं, त्या राज्याचे विधानसभेंत अशे तरेन राखून दवरिल्ल्या सुवातांचे संख्येचें विधानसभेंतल्या सुवातांचे वट्ट संख्ये कडेन प्रमाण आसतलें.

[4][(3क) पोटकलम (3) हातूंत कितेंय आसपावीत आसलें तरी, अरुणाचल प्रदेश, मेघालय, मिझोराम आनी नागालँड ह्या राज्यांच्या विधानसभांतल्या सुवातांचे संख्येचे अनुच्छेद 170 खाला, [5][2026] वर्सा उपरांतचे पयले जनगणनेच्या आदारान केल्लें फेरसमायोजन प्रभावांत ये मेरेन, अश्या खंयच्याय राज्याचे विधानसभेंत अनुसुचीत जातीं खातीर ज्यो सुवातो आरक्षीत दवरतले त्यो सुवातो सकयल दिल्ले प्रमाणें आसतल्यो,—

---

[1] संविधान (एकशें सवो बदल) अधिनेम, 2023, कलम 3 (तारीख अधिसुचीत करपाची उरल्या) वरवीं निविश्ट केलें.

[2] संविधान (एकावनावो बदल) अधिनेम, 1984, कलम 3 (16-6-1986 हे तारखे सावन लागू) वरवीं विशिश्ट उतरांचे सुवातेर घालें.

[3] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पयले अनुसुचीच्या भाग (क) वा भाग (ख) हातूंत विनिर्दिश्ट केल्लीं" हीं उतरां आनी अक्षरां काडलीं.

[4] संविधान (सत्तावनावो बदल) अधिनेम, 1987, कलम 2 (21-9-1987 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[5] संविधान (चवद्यांयश्यांवो बदल) अधिनेम, 2001, कलम 7 (21-2-2002 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "2000" हे सुवातेर घालें.

(क) संविधान (सत्तावनावो बदल) अधिनेम, 1987, अंमलांत येवपाचे तारखेर अशा राज्याचे विधानसभेंतल्यो (ह्या पोटकलमांत हे फुडें विद्यमान विधानसभा म्हूण विनिर्दिश्ट केलां) सगल्यो सुवातो अनुसुचीत जातींच्या वांगड्यांनीच धारण केल्ल्यो आसल्यार, एक सोडल्यार सगल्यो सुवातो;

(ख) हेर खंयचेय बाबतींत, सुवातांचे वट्ट संख्ये कडेन, विद्यमान विधानसभेंतल्या अनुसुचीत जातींच्या वांगड्यांचे (उल्लेखीत तारखेर) संख्येचे विद्यमान विधानसभेंतल्या सुवातांचे वट्ट संख्ये कडेन जें प्रमाण आसतलें, ते परस उण्यो नात इतल्या प्रमाणांत आसतल्यो इतल्यो सुवातो.]

[1][(3ख) पोटकलम (3) हातूंत कितेंय आसपावीत आसलें तरी, त्रिपुरा राज्याचे विधानसभेंतल्या सुवातांचे संख्येच्या, [2][2026] वर्सा उपरांतचे पयले जनगणनेच्या आदारान, अनुच्छेद 170 खाला फेरसमायोजन प्रभावांत ये मेरेन, विधानसभेंत अनुसुचीत जातीं खातीर आरक्षीत दवरिल्ल्या सुवातांचे संख्येच्या, संविधान (ब्यात्तरावो बदल) अधिनेम, 1992 अंमलांत येवपाचे तारखेर आशिल्ल्या सुवातांचे वट्ट संख्ये कडेन आसपाचें प्रमाण हें, उल्लेखीत तारखेर विद्यमान आशिल्ले विधानसभेंतल्या अनुसुचीत जातींच्या वांगड्यांचे संख्येच्या, ते विधानसभेंतल्या वट्ट सुवातांचे संख्ये कडेन जें प्रमाण आसतलें, त्या प्रमाणा परस उण्यो आसच्यो नात.]

(4) आसाम राज्याचे विधानसभेंत खंयच्याय स्वायत्त जिल्ल्या खातीर राखून दवरिल्ल्या सुवातांचे संख्येचें ते विधानसभेंतल्या सुवातांचे वट्ट संख्ये कडेन आसपाचें प्रमाण हें उणेंच तें त्या जिल्ल्याचे लोकसंख्येचे त्या राज्याचे लोकसंख्ये कडेन आशिल्ल्या प्रमाणा इतलें आसतलें.

(5) [3]*** आसामाच्या खंयच्याय स्वायत्त जिल्ल्या खातीर राखून दवरिल्ल्या सुवातांच्या मतदारसंघांनी त्या जिल्ल्या भायलें खंयचेंच क्षेत्र आसपावीत आसचें ना.

(6) आसाम राज्याच्या खंयच्याच स्वायत्त जिल्ल्यांतल्या अनुसुचीत जनजातींचो घटक नाशिल्ली अशी खंयचीच व्यक्ती त्या जिल्ल्यांतल्या [3]*** खंयच्याच मतदारसंघांतल्यान त्या राज्याचे विधानसभेचे वेंचणुकेक पात्र आसची ना:

[4][ताका शर्त अशी कीं, आसाम राज्याचे विधानसभा वेंचणुके खातीर, बोडोलॅण्ड क्षेत्रीय

[1] संविधान (ब्यात्तरावो बदल) अधिनेम, 1992, कलम 2 (5-12-1992 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[2] संविधान (चवद्यांयश्यांवो बदल) अधिनेम, 2001, कलम 7 (21-2-2002 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "2000" हे सुवातेर घालें.

[3] पुर्वोत्तर वाठार (फेररचणूक) अधिनेम, 1971 (1971चो 81वो), कलम 71 (21-1-1972 हे तारखे सावन लागू) वरवीं विशिश्ट उतरां काडलीं.

[4] संविधान (णव्वदावो बदल) अधिनेम, 2003, कलम 2 (28-9-2003 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

जिल्ल्यांतल्या वाठारांनी आसपावीत मतदारसंघांनी, अनुसुचीत जमातींचें आनी गैर-अनुसुचीत जमातींचें, जें तशें अधिसुचीत केल्लें, आनी बोडोलॅण्ड क्षेत्रीय वाठारांच्या जिल्ल्याचे घडीत जावचे आदीं अस्तित्वांत आशिल्ल्यांचें प्रतिनिधित्व सांबाळटले.]

[1][**332क. राज्यांच्या विधानसभांनी बायलां खातीर सुवातांचें आरक्षण**.—(1) दर एका राज्याचे विधानसभेंत बायलां खातीर सुवातो आरक्षीत दवरतले.

(2) अनुच्छेद 332च्या पोटकलम (3) खाला आरक्षीत दवरिल्ल्या सुवातांचे वट्ट संख्ये मदल्यो, जमत तितल्यो, एक-तृतियांश सुवातो, अनुसुचीत जाती वा अनुसुचीत जमातींतल्या बायलां खातीर आरक्षीत दवरतले.

(3) दर एका राज्याचे विधानसभेचे थेट वेंचणुके वरवीं भरपाच्या सुवातांचे वट्ट संख्ये मदल्यो (अनुसुचीत जातीं वा अनुसुचीत जमातींतल्या बायलां खातीर आरक्षीत आशिल्ल्या सुवातांचे संख्ये सयत), जमत तितल्यो, एक-तृतियांश सुवातो, बायलां खातीर आरक्षीत दवरतले.]

**333. राज्यांच्या विधानसभांनी आंग्ल-भारतीय समाजाचें प्रतिनिधित्व.**—अनुच्छेद 170 हातूंत कितेंय आसलें तरी, जर खंयच्याय राज्याचे विधानसभेंत आंग्ल-भारतीय समाजाक प्रतिनिधित्व मेळपाची गरज आसा आनी तातूंत ताका फावोशें प्रतिनिधित्व मेळूंक ना अशें त्या राज्याच्या राज्यपालाचें [2]*** मत आसत जाल्यार ताच्यान [3][त्या समाजाचो एक वांगडी विधानसभेचेर नामनिर्देशीत करूं येता].

**334.** [4][**आरक्षीत सुवात आनी खाशेलें प्रतिनिधित्व थारावीक काळा उपरांत बंद जावप**].—ह्या भागांतल्या वयल्या उपबंधांतली खंयचीय बाब आसून लेगीत, ह्या संविधानांतल्या उपबंधां संबंदीत—

(क) लोकसभेंत आनी राज्याच्या विधानसभांनी अनुसुचीत जाती आनी अनुसुचीत जमाती हांचे खातीर सुवातो राखून दवरप; आनी

(ख) लोकसभेंत आनी राज्यांच्या विधानसभांनी आंग्ल-भारतीय समाजाचें नामनिर्देशीत करून प्रतिनिधित्व,

---

[1] संविधान (एकशें सवो बदल) अधिनेम, 2023, कलम 4 (तारीख अधिसुचीत करपाची उरल्या) वरवीं निविश्ट केलें.

[2] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956 कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "वा राजप्रमूख" हीं उतरां काडलीं.

[3] संविधान (तेविसावो बदल) अधिनेम, 1969, कलम 4 (23-1-1970 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "ते विधानसभेंत ताका समुचीत दिसतीत तितले त्या समाजाचे वांगडी नाम निर्देशीत करूं येतात" हे सुवातेर घालें.

[4] संविधान (एकशें चारावो बदल) अधिनेम, 2019, कलम 2 (25-1-2020 हे तारखे सावन लागू) वरवीं समास माथाळो हे सुवातेर घालें.

ह्या संविधानाच्या आरंभा सावन [1][पोटकलम (क) संदर्भांत अंयशीं वर्सां आनी पोटकलम (ख) संदर्भांत सत्तर वर्सां] काळ सोंपतकूच ताचो परिणाम जावचो ना:

ताका शर्त अशी कीं, ह्या अनुच्छेदांतले खंयचेच बाबीक लागून लोकसभेंतल्या वा राज्याचे विधानसभेंतल्या कसल्याच प्रतिनिधित्वाचेर, त्या वेळार विद्यमान आशिल्ले लोकसभेचें वा विधानसभा बरखास्त जायत मेरेन, जशें आसत तशें, परिणाम जावचो ना.

[2][**334क. बायलां खातीर सुवातांचें आरक्षण प्रभावी जावप.**—(1) ह्या भागाच्या वा भाग VIIIच्या पुर्वगामी उपबंधांत कितेंय आसपावीत आसलें तरी, लोकसभेंत, खंयच्याय राज्याचे विधानसभेंत आनी दिल्ली राष्ट्रीय राजधानी राज्यक्षेत्राचे विधानसभेंत बायलां खातीर सुवातो आरक्षीत दवरपा कडेन संबंदीत आशिल्ल्या उपबंधांत, संविधान (एकशें सवो बदल) अधिनेम, 2023 हाच्या आरंभा उपरांत घेतिल्ले पयले जनगणनेची संबंदीत आंकडेवारी प्रकाशीत केल्या उपरांत, ह्या प्रयोजना खातीर परिसीमन कार्य हातांत घेतल्या उपरांत अंमलांत येतले आनी अशा आरंभा सावन पंदरा वर्सांचो कालावधी सोंपल्या उपरांत, प्रभावांत आसप बंद जातलें.

(2) अनुच्छेद 239कक, 330क आनी 332क हांच्या उपबंधांच्या अधीन रावन, लोकसभेंत, खंयच्याय राज्याचे विधानसभेंत आनी दिल्ली राष्ट्रीय राजधानी राज्यक्षेत्राचे विधानसभेंत बायलां खातीर आरक्षीत दवरिल्ल्यो सुवातो, संसद, कायद्या वरवीं निर्धारीत करता अशे तारखे मेरेन अंमलांत आसप चालू उरतल्यो.

(3) लोकसभेंत, खंयच्याय राज्याचे विधानसभेंत आनी दिल्ली राष्ट्रीय राजधानी राज्यक्षेत्राचे विधानसभेंत बायलां खातीर आरक्षीत दवरिल्ल्या सुवातांचें आवर्तन, संसद, कायद्या वरवीं निर्धारीत करता अश्या परिसिमनांचे दर एके अनुवर्ती कार्यवाहे उपरांत प्रभावांत येतलें.

(4) ह्या अनुच्छेदांतले खंयचेय बाबीक लागून, त्या वेळार विद्यमान आशिल्ले लोकसभेचें, खंयच्याय राज्याचे विधानसभेचें वा दिल्ली राष्ट्रीय राजधानी राज्यक्षेत्राची विधानसभा बरखास्त जाय मेरेन, लोकसभेंतल्या, खंयच्याय राज्याचे विधानसभेंतल्या वा दिल्ली राष्ट्रीय राजधानी राज्यक्षेत्राचे विधानसभेंतल्या खंयच्याय प्रतिनिधित्वाचेर, कसलोच परिणाम जावचो ना.]

**335. सेवा आनी अधिकारपदां हांचेर अनुसुचीत जाती आनी अनुसुचीत जमाती हांचे हक्क.**—संघराज्य वा राज्य हांच्या कारभाराच्या संबंदांतल्या सेवांनी आनी अधिकारपदांचेर नेमणूक करतना अनुसुचीत जाती आनी अनुसुचीत जमाती हातूंतल्या व्यक्तीचे हक्क प्रशासनाची कार्यक्षमताय राखपा कडेन सुसंगत आसत अशे रितीन विचारांत घेतले:

---

[1] संविधान (एकशें चारावो बदल) अधिनेम, 2019, कलम 2 (25-1-2020 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "सत्तर वर्सां" हे सुवातेर घालें. संविधान (पंच्याण्णवावो बदल) अधिनेम, 2009, कलम 2 (25-1-2010 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "सत्तर वर्सां" हीं उतरां "साठ वर्सां" हे सुवातेर घालीं. संविधान (एकोणअंयश्यांवो बदल) अधिनेम, 1999, कलम 2 (25-1-2000 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "साठ वर्सां" हीं उतरां "पन्नास वर्सां" हे सुवातेर घालीं. संविधान (बांसठावो बदल) अधिनेम, 1989, कलम 2 (20-12-1989 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पन्नास वर्सां" हीं उतरां "चाळीस वर्सां" हे सुवातेर घालीं. संविधान (पंचेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1980, कलम 2 (25-1-1980 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "चाळीस वर्सां" हीं उतरां "तीस वर्सां" हे सुवातेर घालीं.

[2] संविधान (एकशें सवो बदल) अधिनेम, 2023, कलम 5 (तारीख अधिसुचीत करपाची उरल्या) वरवीं निविश्ट केलें.

[1][ताका शर्त अशी कीं, ह्या अनुच्छेदांतले खंयचेच बाबीक लागून, संघराज्य वा राज्याच्या कारभाराच्या संबंदांतल्या सेवांच्या खंयच्याच वर्गांत वा वर्गांनी वा पदांचेर बडटी दिवपाचे बाबतींत आरक्षण दवरूंक, अनुसुचीत जातीं आनी अनुसुचीत जमातींतल्या व्यक्तीं खातीर, खंयचेय परिक्षेंत पात्रताय गूण शिथील करपाचे नदरेंतल्या वा मुल्यमापनाचीं मानकां उणीं करपाचे नदरेंतल्यान, कसलोय उपबंध प्रतिबंद जावचो ना.]

**336.विशिश्ट सेवांनी आंग्ल-भारतीय समाजा खातीर खाशेलो उपबंध.**—(1) ह्या संविधानाच्या आरंभा उपरांत पयल्या दोन वर्सांनी आंग्ल-भारतीय समाजांतल्या व्यक्तींच्यो नेमणुको, संघराज्या रेल्वे, सिमाशुल्क, टपाल आनी तार सेवांतल्या अधिकारपदांचेर 15 ऑगस्ट, 1947च्या निकटपूर्व जश्यो करताले तश्याच तत्वाचेर करतले.

दर दोन वर्सांच्या अनुवर्ती काळांत, उक्त समाजांतल्या व्यक्तीं खातीर उक्त सेवांनी राखून दवरिल्ल्या अधिकार पदांची संख्या निकटपूर्व दोन वर्सांच्या काळांत हे प्रमाणें राखून दवरिल्लें अधिकारपद संख्ये परस जाता तितले परीं लागीं लागीं धा प्रतिश्यांनी उणी आसतली:

ताका शर्त अशी कीं, ह्या संविधानाच्या आरंभा सावन धा वर्सांचे अखेरेक अश्यो सगल्यो सुवातो राखून दवरप समाप्त जातलें.

(2) जर आंग्ल-भारतीय समाजांतली व्यक्ती, हेर समाजांतल्या व्यक्तीं कडेन तुळा केल्यार, गुणवत्तेच्या आदारान नेमणुकेक पात्र आसा अशें दिसलें जाल्यार, पोटकलम (1) खाला त्या समाजा खातीर राखून दवरिल्ल्यां परस हेर वा चड अधिकारपदांचेर अश्या व्यक्तींची नेमणूक करपाक त्या पोटकलमांतले खंयचेच बाबीक लागून आडखळ जावची ना.

**337. आंग्ल-भारतीय समाजाच्या हिता खातीर शिक्षणीक अनुदानां संबंदीं खाशेलो उपबंध.**—आंग्ल-भारतीय समाजाच्या हिता खातीर शिक्षणा संबंदीं 31 मार्च, 1948 दिसा सोंपपी वित्तीय वर्सांत दिल्लीं अशीं थोडीं अनुदानां आसतीत जाल्यार, तींच ह्या संविधानाच्या आरंभा उपरांत पयल्या तीन वित्तीय वर्सांनी संघराज्य आनी दर एक राज्य [2]*** हांचे कडल्यान दिल्लीं.

दर तीन वर्सांच्या अनुवर्ती काळांत निकटपूर्व तीन वर्सांच्या काळांतल्या अनुदानां परस तीं धा प्रतिश्यांनी उणीं आसतलीं:

ताका शर्त अशी कीं, ह्या संविधानाच्या आरंभा सावन धा वर्सांचे अखेरेक अशीं अनुदानां जितले मेरेन तीं आंग्ल-भारतीय समाजाक खाशेली सवलत म्हूण आसतीत तितले व्याप्ते पुरतीं बंद जातलीं.

ताका आनीक शर्त अशी कीं, खंयचीय शिक्षण संस्था, तातूंत दिवपाच्या वर्सुक्या प्रवेशां मदल्या उण्यांत उणे चाळीस प्रतिश्यां इतले प्रवेश आंग्ल-भारतीय समाजा परस हेर समाजांतल्या व्यक्तींक मेळोवन दिले बगर ह्या अनुच्छेदा खाला कसलेंच अनुदान मेळोवपाक हक्कदार जावची ना.

---

[1] संविधान (ब्यांयश्यांवो बदल) अधिनेम, 2000, कलम 2 (8-9-2000 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें,

[2] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पयले अनुसुचीच्या भाग (क) वा भाग (ख) हातूंत विनिर्दिश्ट केल्लीं" हीं उतरां आनी अक्षरां काडलीं.

**338.** [1][**राष्ट्रीय अनुसुचीत जाती आयोग**].—[2][[3][(1) अनुसुचीत जातीं खातीर एक आयोग आसतलो आनी ताका राष्ट्रीय अनुसुचीत जाती आयोग अशें म्हणटले.

(2) हे संबंदीं संसदेन केल्ल्या खंयच्याय कायद्याचे अधीनतायेन आयोगाक एक अध्यक्ष, एक उपाध्यक्ष आनी पांच हेर वांगडी आसतले आनी अशे तरेन नेमिल्ले अध्यक्ष, उपाध्यक्ष आनी पांच वांगडी हांच्यो सेवा अटी आनी कार्यकाळ राष्ट्रपती नेमा वरवीं थारायत ते प्रमाणें आसतलो.]

(3) राष्ट्रपती आपणाली निशाणी आनी मुद्रा हांचे सयत लेखी अधिपत्र दिवन अध्यक्ष, उपाध्यक्ष आनी पांच हेर वांगडी हांच्यो नेमणुको करतलो.

(4) आयोगाक आपणाली प्रक्रिया आनी कार्यपद्दत थारावपाचो अधिकार आसतलो.

(5) आयोगाचीं कर्तव्यां सकयल दिल्ले प्रमाणें आसतलीं—

(क) अनुसुचीत जातीं खातीर [4]*** ह्या संविधाना खाला वा वेळावेळार लागू आशिल्ल्या हेर खंयच्याय कायद्या खाला वा सरकाराच्या खंयच्याय आदेशा खाला उपबंध केल्ल्या संरक्षक उपाययेवजण्यां संबंदीं सगल्या विशयांची तपासणी आनी देखरेख करप आनी अश्या संरक्षक उपाययेवजण्यांच्या कार्यान्वयनाचें मुल्यमापन करप;

(ख) अनुसुचीत जातींक [4]*** हक्क आनी संरक्षक उपाययेवजण्यां पसून वंचीत केल्ल्या संबंदान विशिश्ट कागाळींची चवकशी करप;

(ग) अनुसुचीत जातींच्या [1]*** समाजीक-अर्थीक उदरगतीचे नियोजन प्रक्रियेंत वांटेकार जावप आनी सल्लो दिवप तशेंच संघराज्याच्या आनी खंयच्याय राज्याच्या नियंत्रणा खाला तांचे उदरगतीचे प्रगतीचें मुल्यमापन करप;

(घ) त्या संरक्षक उपाययेवजण्यांच्या कार्यान्वयना विशींचो अहवाल दर वर्सा आनी आयोगाक योग्य दिसता अशा हेर वेळार राष्ट्रपतीक सादर करप;

(ङ) अशा अहवालांनी, संघराज्यान वा खंयच्याय राज्यान, त्या संरक्षक

---

[1] संविधान (एकोणणव्वदावो बदल) अधिनेम, 2003, कलम 2 (19-2-2004 हे तारखे सावन लागू) वरवीं समास माथाळो हे सुवातेर घालें.

[2] संविधान (पांसठावो बदल) अधिनेम, 1990, कलम 2 (12-3-1992 हे तारखे सावन लागू) वरवीं पोटकलम (1) आनी (2) हे सुवातेर घालें.

[3] संविधान (एकोणणव्वदावो बदल) अधिनेम, 2003 कलम 2 (19-2-2004 हे तारखे सावन लागू) वरवीं पोटकलम (1) आनी (2) हे सुवातेर घालें.

[4] संविधान (एकोणणव्वदावो बदल) अधिनेम, 2003, कलम 2 (19-2-2004 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "आनी अनुसुचीत जमाती" हीं उतरां काडलीं.

उपाययेवजण्यांची प्रभावी अंमलबजावणी करपाक आंखपाचे उपाय आनी अनुसुचीत जातींचें [1]*** संरक्षण, कल्याण आनी समाजीक-अर्थीक उदरगत हांचे खातीर करपाचे हेर उपाय, हे विशीं शिफारस करप; आनी

(च) अनुसुचीत जातींचें [1]*** संरक्षण, कल्याण आनी उदरगत आनी उन्नती हे संबंदान, राष्ट्रपती, संसदेन केल्ल्या खंयच्याय कायद्याच्या उपबंधांचे अधीन रावन, नेमा प्रमाणें निर्दिश्टीत करतले, अशीं हेर कार्यां करप.

(6) राष्ट्रपती, संघराज्या कडेन संबंदीत आशिल्ल्या शिफारशींचेर केल्ली वा करपाचो प्रस्ताव केल्ली कारवाय आनी अश्या शिफारशींतल्यो खंयच्योय शिफारशी स्विकारूंक नाशिल्ल्याचीं कारणां, कसलींय आसल्यार, स्पश्ट करपाच्या निवेदना सयत अशे सगले अहवाल, संसदेच्या दर एका सभाघरा मुखार मांडपाची वेवस्था करतले.

(7) जेन्ना असो खंयचोय अहवाल वा ताचो खंयचोय भाग, खंयच्याय राज्य सरकारा कडेन संबंदीत आशिल्ल्या कसल्याय विशया संबंदीत आसतलो तेन्ना, अशा अहवालाची एक प्रत, त्या राज्याच्या राज्यपालाक धाडटले, तो, राज्या कडेन संबंदीत आसपी शिफारशींचेर केल्ली वा करपाचो प्रस्ताव केल्ली कारवाय आनी अश्या शिफारशींतल्यो खंयच्योय शिफारशी स्विकारूंक नाशिल्ल्याचीं कारणां, कसलींय आसल्यार, स्पश्ट करपाच्या निवेदना सयत, ती प्रत, राज्य विधीमंडळा मुखार दवरपाची वेवस्था करतलो.

(8) पोटकलम (5)च्या उप-पोटकलम (क) हातूंत विनिर्दिश्टीत केल्ल्या खंयच्याय विशयाची तपासणी करतना वा उप-पोटकलम (ख) हातूंत विनिर्दिश्टीत केल्ल्या कागाळींची चवकशी करतना आनी खास करून सकयल्या विशयांच्या संबंदान, आयोगाक, खंयच्याय खटल्याची न्याय-चवकशी करपी दिवाणी न्यायालयाक आशिल्ले सगले अधिकार आसतले, ते म्हणल्यार:—

(क) भारताच्या खंयच्याय भागांतले कोणेय व्यक्तीक न्यायीक आपोवणें (समन्स) धाडून हाजीर रावपाक लावप तशेंच ताका सोपूत घेवंक लावन चवकशी करप;

(ख) खंयच्याय दस्तावेजाचो सोद घेवपाक आनी तो सादर करपाक लावप;

(ग) सोपूतपत्राचेर पुरावो स्विकारप;

(घ) खंयच्याय न्यायालया वा कार्यालया कडल्यान खंयच्याय भौशीक अभिलेखाची वा ताचे प्रतीची मागणी करप;

(ङ) गवायांच्या आनी दस्तावेजांच्या परिक्षणा खातीर आयोगपत्रां काडप;

(च) राष्ट्रपती, नेमा प्रमाणें, थारायता ते हेर खंयचेय विशय.

(9) संघराज्य आनी दर एक राज्य सरकार, अनुसुचीत जातींचेर [1]*** परिणाम करपी सगल्या मुखेल धोरणविशयक विशयांचेर आयोगा कडेन विचार-विनिमय करतलें.]

[2][(10)] ह्या अनुच्छेदांत, अनुसुचीत जातींचो उल्लेख [1]*** हाचो अर्थ आंग्ल भारतीय जमातीचो उल्लेख [3]*** असो आनी आसपाविल्लो असो लायतले.

[4][**338क. अनुसुचीत जमातीं खातीर राष्ट्रीय आयोग.**—(1) अनुसुचीत जमातीं खातीर एक आयोग आसतलो, जाका राष्ट्रीय अनुसुचीत जमाती आयोग अशें म्हणटले.

---

[1] संविधान (एकोणणव्वदावो बदल) अधिनेम, 2003, कलम 2 (19-2-2004 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "आनी अनुसुचीत जमाती" हीं उतरां काडलीं.

[2] संविधान (पांसठावो बदल) अधिनेम, 1990, कलम 2 (12-3-1992 हे तारखे सावन लागू) वरवीं पोटकलम (3) हे पोटकलम (10) अशे फेरअंकिकृत केलें.

[3] संविधान (एकशें दोनावो बदल) अधिनेम, 2018, कलम 2 (15-8-2018 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "अनुच्छेद 340च्या पोटकलम (1) खाला नेमिल्ल्या आयोगाचो अहवाल मेळटकूच राष्ट्रपतीच्यान अश्या हेर मागास वर्गां खातीर, आदेशा वरवीं विनिर्दिश्ट केल्लें आनी तशेंच" हीं उतरां, कंसां आनी आंकडे काडलें.

[4] संविधान (एकोणणव्वदावो बदल) अधिनेम, 2003, कलम 3 (19-2-2004 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 338क निविश्ट केलें.

(2) हे संबंदीं संसदेन केल्ल्या खंयच्याय कायद्याच्या उपबंधांचे अधीनतायेन, ह्या आयोगाक अध्यक्ष, उपाध्यक्ष आनी हेर तीन वांगडी आसतले आनी अशे तरेन नेमिल्ले अध्यक्ष, उपाध्यक्ष आनी हेर वांगडी हांच्यो सेवा, अटी आनी पदाचो कार्यकाळ, राष्ट्रपती, नेमा वरवीं, थारायता ते प्रमाणें आसतलो.

(3) राष्ट्रपती, आपणाली स्वाक्षरी आनी मुद्रा हांचे सयत लेखी अधिपत्र दिवन आयोगाचो अध्यक्ष, उपाध्यक्ष आनी हेर वांगडी हांची नियुक्ती करतलो.

(4) आयोगाक आपले कार्यपद्दतीचें नेमन करपाचो अधिकार आसतलो.

(5) आयोगाचें कर्तव्य अशें आसतलें—

(क) ह्या संविधाना खाला अनुसुचीत जमातीं खातीर उपबंध केल्ल्या सुरक्षा कवचा कडेन संबंदीत सगल्या बाबींची चवकशी करप आनी तांचेर नियंत्रण दवरप, वा तत्पुरतो चालंत आशिल्लो हेर कसलोय कायदो वा सरकाराच्या कसल्याय आदेशा खाला आनी अश्या कवचांच्या कार्याची मोलावणी करप;

(ख) अनुसुचीत जमातींचे हक्क आनी सुरक्षा कवच हीं न्हयकारपा बाबतींतल्या विशिश्ट कागाळींची चवकशी करप;

(ग) अनुसुचीत जमातींच्या समाजीक-अर्थीक विकासाचे येवजण प्रक्रियेंत वांटेकार जावन सल्लो दिवप आनी संघराज्याचे आनी खंयच्याय राज्याचे प्रगतीची मोलावणी करप;

(घ) त्या सुरक्षा कवचांचे कार्यपद्दतीचेर दर वर्सा, आनी अश्या दुसऱ्या वेळांचेर, जशें आयोगाक योग्य दिसत तशें, राष्ट्रपतीक कळीत करप;

(ङ) अश्या अहवालांनी सुचोवण्यो करप ज्यो संघराज्य वा खंयचेंय राज्य तीं सुरक्षा कवचां परिणामकारक रितीन चालीक लावपाक आनी अनुसुचीत जमातींच्या सांबाळाक, कल्याणाक आनी समाजीक-अर्थीक विकासा खातीर; आनी

(च) संसदेन केल्ल्या कसल्याय कायद्याच्या उपबंधांक धरून, राष्ट्रपतीच्यान नेमान स्पश्ट करूं येतात अशीं अनुसुचीत जमातींची राखण, कल्याण आनी विकास आनी उन्नती हीं आनी अशीं कार्यां चालीक लावपाक.

(6) राष्ट्रपती अशे सगले अहवाल संसदेच्या दर एका सभाघराच्या पटलार दवरपाक सांगतलो आनी ताचे सयत अमान्यताये खातीरचीं कारणां आनी संघराज्याक केल्ल्यो सुचोवण्यो हांचेर केल्ली कृती वा करपाची थारायिल्ली कृती स्पश्ट करपी निवेदना सयत, आसत जाल्यार, असल्यो कसल्योय सुचोवण्यो.

(7) जंय असलो कसलोय अहवाल, वा ते विशींचो खंयचोय भाग, ज्या विशया कडेन संबंदीत आसा जाचे विशीं खंयचेंय राज्य सरकार हुसकेस्त आसा, अशा अहवालाची एक प्रत राज्याच्या राज्यपालाक धाडटले. राज्या कडेन संबंदीत शिफारशींचेर केल्ली वा करपाची थारायिल्ली कृती निवेदना सयत आनी अमान्यताये खातीरचीं कारणां, आसत जाल्यार, जो तो विशय राज्याच्या विधीमंडळा मुखार दवरतलो.

(8) आयोगाक, उप-पोटकलम (क) हातूंत उल्लेख केल्ल्या कसल्याय विशयाची चवकशी करतना वा पोटकलम (5)च्या उप-पोटकलम (ख) हातूंत उल्लेख केल्ले कसलेय कागाळेची चवकशी करतना, खटलो चलोवपी नागरी न्यायालयाचे सगले अधिकार आनी सकयल्या विशयांनी खाशेलपणां आसतलीं, म्हणल्यार:—

(क) भारताच्या खंयच्याय भागांतल्या मनशाक आपोवप आनी ताची हजेरी सक्तेन करून घेवप आनी ताची सोपुताचेर तपासणी करप;

(ख) कसलींय कागदपत्रां सोदून काडप आनी सादर करप;

(ग) सोपूतपत्राचेर पुरावो घेवप;

(घ) कसलीय भौशीक नोंद वा ताची प्रत खंयच्याय न्यायालयांतल्यान वा कचेरेंतल्यान मागोवप;

(ङ) गवायांचे आनी कागदपत्रांचे तपासणे खातीर आयोगपत्र काडप;

(च) दुसरो कसलोय विशय जो राष्ट्रपतीच्यान, नेमान, थारावं येता.

(9) संघराज्य आनी दर एक राज्य सरकार अनुसुचीत जमातीक बादिकार जावपी सगल्या मुखेल धोरणात्मक विशयांचेर आयोगाचो सल्लो घेतलें.]

[1][**338ख. मागास वर्गां खातीर राष्ट्रीय आयोग.**—(1) समाजीक आनी शिक्षणीक नदरेन मागास वर्गां खातीर एक आयोग आसतलो आनी ताका मागास वर्गां खातीर राष्ट्रीय आयोग अशें म्हणटले.

(2) संसदेन, हे वतीन केल्ल्या खंयच्याय कायद्याच्या उपबंधांक आदारून, आयोगांत अध्यक्ष, उपाध्यक्ष आनी हेर तीन वांगडी हांचो आसपाव आसतलो आनी अशे तरेन नेमिल्ले अध्यक्ष, उपाध्यक्ष आनी हेर हांच्यो सेवा, अटी आनी पद हांचो कार्यकाळ, राष्ट्रपतीन, नेमां वरवीं थारायिल्ले प्रमाणें आसतलो.

(3) आयोगाचो अध्यक्ष, उपाध्यक्ष आनी हेर वांगडी हांची नेमणूक, राष्ट्रपती, आपली निशाणी आनी शिक्को हांचे सयत करतलो.

(4) आयोगाक स्वताची प्रक्रिया नियंत्रीत करपाचो अधिकार आसतलो.

(5) आयोगाचें कर्तव्य आसतलें की—

(क) ह्या संविधाना खाला वा सध्या लागू आशिल्ल्या हेर खंयच्याय कायद्या खाला वा सरकाराच्या खंयच्याय आदेशा खाला समाजीक आनी शिक्षणीक नदरेन मागास वर्गां खातीर दिल्ल्या सुरक्षा उपायांची चवकशी आनी निरिक्षण करप आनी अश्या सुरक्षा उपायांच्या कामाचें मुल्यांकन करप;

(ख) समाजीक आनी शिक्षणीक नदरेन मागास वर्गांतल्या लोकांक हक्क आनी सुरक्षा वंचीत दवरपा संबंदीं विशिश्ट कागाळींची चवकशी करप;

(ग) समाजीक आनी शिक्षणीक नदरेन मागास वर्गांतले समाजीक-अर्थीक उदरगतींत वांटो घेवप आनी सल्लो दिवप आनी संघराज्य आनी खंयच्याय राज्या खाला तांचे उदरगतीचे प्रगतीचें मुल्यांकन करप;

---

[1] संविधान (एकशें दोनावो बदल) अधिनेम, 2018, कलम 3 (15-8-2018 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 338ख निविश्ट केलें.

(घ) वर्सुकी आनी आयोगाक योग्य दिसपी हेर वेळार, त्या सुरक्षा उपायांच्या कामाचो अहवाल राष्ट्रपती मुखार सादर करप;

(ङ) त्या सुरक्षा उपायांची प्रभावी अंमलबजावणी करपा खातीर संघराज्यान वा खंयच्याय राज्यान कितें उपाय करचे आनी समाजीक आनी शिक्षणीक नदरेन मागास आशिल्ल्या लोकांची राखण, कल्याण आनी समाजीक-अर्थीक विकासा खातीर हेर उपाय येवजण्यांचो आसपाव अशा अहवालांत करप; आनी

(च) संसदेन केल्ल्या खंयच्याय कायद्याच्या उपबंधांक पाळो दिवन, नेमा प्रमाणें राष्ट्रपती कडल्यान समाजीक आनी शिक्षणीक नदरेन मागास वर्गांची राखण, कल्याण आनी विकास आनी प्रगती हांचे संबंदीं हेर कार्यां करप.

(6) राष्ट्रपती, संघराज्या संबंदीत शिफारशींचेर केल्ली वा करपाची आशिल्ली कृती आनी अशा शिफारशींची दखल घेवंक नासत जाल्यार, ताचीं कारणां स्पश्ट करपाच्या निवेदनां सयत अशे तरेचे सगले अहवाल संसदेच्या दोनूय सभाघरां मुखार दवरपाक सांगतलो.

(7) जंय असो खंयचोय अहवाल वा ताचो खंयचोय भाग खंयच्याय राज्य सरकाराक संबंदीत आसल्यार, अश्या अहवालाची प्रत राज्य सरकाराक धाडटले, जें तो अहवाल, संबंदीत शिफारशीं सयत केल्ली वा करपाची कृती आनी अश्या शिफारशींची दखल घेवंक ना जाल्यार ताचीं कारणां स्पश्ट करपाच्या निवेदनां सयत राज्याच्या विधीमंडळा मुखार दवरतले.

(8) उप-पोटकलम (क)त उल्लेख केल्ल्या खंयच्याय प्रकरणाची चवकशी करतना वा पोटकलम (5)च्या उप-पोटकलम (ख)त उल्लेख केल्ले खंयचेय कागाळीची चवकशी करतना आनी खास करून फुडें दिल्ल्या बाबीं खातीर आयोगाक खटलो हाताळटना दिवाणी न्यायालयाचे सगले अधिकार आसतले:—

(क) भारतांतल्या खंयच्याय भागांतल्यान कोणेय व्यक्तीक आपोवन हाडून तिची हाजिरी लागू करप आनी सोपूत घेवन तपासणी करप;

(ख) कसलींय कागदपत्रां सोदून काडप आनी सादर करप;

(ग) सोपूतपत्राचेर पुरावो घेवप;

(घ) कसलीय भौशीक नोंद वा ताची प्रत खंयच्याय न्यायालयांतल्यान वा कचेरेंतल्यान मागोवप;

(ङ) गवायांचे आनी कागदपत्रांचे तपासणे खातीर आयोगपत्र काडप;

(च) दुसरो कसलोय विशय जो राष्ट्रपतीच्यान, नेमान, थारावं येता.

(9) संघराज्य आनी दर एक राज्य सरकार, समाजीक आनी शिक्षणीक नदरेन मागास वर्गांचेर परिणाम करपी सगल्या मुखेल धोरणात्मक बाबींचेर आयोगाचो सल्लो घेवचो:]

[1][ताका शर्त अशी कीं, अनुच्छेद 342क चें पोटकलम (3)च्या प्रयोजनां खातीर ह्या पोटकलमांतलें कांयच लागू जावचें ना.]

**339. अनुसुचीत क्षेत्रांचें प्रशासन आनी अनुसुचीत जमाती संबंदींचें कल्याणकार्य हांचेर संघराज्याचें नियंत्रण.**—(1) राष्ट्रपतीच्यान आदेशा वरवीं राज्यांतल्या [2]*** अनुसुचीत क्षेत्रांचें प्रशासन आनी अनुसुचीत जमाती संबंदींचें कल्याणकार्य हांचेर अहवाल दिवपा खातीर एक आयोग खंयच्याय वेळार नेमूं येता, मात ह्या संविधानाच्या आरंभा सावन धा वर्सां सोंपना फुडें तो नेमचोच पडटलो.

त्या आदेशा वरवीं आयोगाची घडण, अधिकार आनी कार्यपद्दत निश्चीत करूं येता आनी तातूंत राष्ट्रपतीक गरजेचे वा योग्य दिसतीत अशे अनुशंगीक वा आदाराचे उपबंध आसपावं येतात.

(2) [3][राज्याक] निदेश दिवन, तातूंत त्या राज्यांतल्या अनुसुचीत जमातींच्या कल्याणा खातीर ज्यो येवजण्यो खूब गरजेच्यो आसात अशें विनिर्दिश्ट केल्लें आसतलें त्या येवजण्यांचो आराखडो तयार करप आनी अंमलबजावणी करप हे संबंदीं तांचे वरवीं निदेशन करप हेंय संघराज्याच्या शासनाधिकाराचे व्याप्तेंत येतलें.

**340. मागास वर्गाचे स्थितीचो सोदतपास करपा खातीर आयोगाची नेमणूक.**—(1) भारताच्या राज्यक्षेत्रांतल्या समाजीक आनी शिक्षणीक नदरेन मागास आशिल्ल्या वर्गाचे स्थितीचे आनी तांकां ज्यो अडचणी सोंसच्यो पडटात तांचो सोदतपास करप आनी अश्यो अडचणी पयस करपा खातीर आनी तांची स्थिती सुदारपा खातीर संघराज्यान वा खंयच्याय राज्यान कसल्यो उपाय येवजण्यो करच्यो ते संबंदीं आनी त्या प्रयोजना खातीर संघराज्यान वा खंयच्याय राज्यान खंयचीं कसलीं अनुदानां दिवचीं आनी कसल्या अटींचे अधीनतायेन अशीं अनुदानां दिवचीं ते संबंदीं शिफारशी करप हांचे खातीर राष्ट्रपतीच्यान ताका योग्य दिसतीत अश्यो व्यक्ती मेळून घडयिल्लो आयोग आदेशा वरवीं नेमूं येता आनी असो आयोग नेमपी आदेशा वरवीं, आयोग ताणें आपणावपाची कार्यपद्दत निश्चीत करतलो.

(2) हे प्रमाणें नेमिल्लो आयोग ताचे कडेन निर्देशिल्ल्या बाबींचो सोदतपास करतलो आनी ताचे नदरेक पडटा अशी वस्तुस्थिती मांडपी आनी ताका योग्य दिसतीत अश्यो शिफारशी करपी अहवाल राष्ट्रपतीक दितलो.

(3) राष्ट्रपती हे प्रमाणें सादर केल्ल्या अहवालाची प्रत, ताचेर केल्ले कारवायेचें स्पश्टीकरण करपी निवेदना सयत संसदेच्या दर एका सभाघरा मुखार दवरूंक लायतलो.

**341. अनुसुचीत जाती.**—(1) राष्ट्रपतीच्यान [4][खंयच्याय राज्याच्या [5][वा केंद्रशासीत प्रदेशाच्या] संबंदांत, आनी तें [2]*** राज्य आसत जाल्यार,

---

[1] संविधान (एकशें पांचावो बदल) अधिनेम, 2021, कलम 2 (15-9-2021 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[2] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पयले अनुसुचीच्या भाग (क) वा भाग (ख) हातूंत विनिर्दिश्ट केल्लीं" हीं उतरां आनी अक्षरां काडलीं.

[3] कित्तो- कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "अशें खंयचेंय राज्य" हे सुवातेर घालें.

[4] संविधान (पयलो बदल) अधिनेम, 1951, कलम 10 (18-6-1951 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "राज्याच्या राज्यपाला कडेन वा राजप्रमुखा कडेन मसलती उपरांत" हे सुवातेर घालें.

[5] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

ताच्या राज्यपालाचो [1]*** विचार घेतल्या उपरांत], जाहीर अधिसुचोवण्यां[2] वरवीं त्या राज्यांत [3][वा केंद्रशासीत प्रदेशा संबंदांत, जशें आसत तशें] ह्या संविधानाच्या प्रयोजना खातीर अनुसुचीत जाती म्हूण मानतले. त्यो जाती, वंश वा जमाती वा जाती, वंश वा जमाती हांचे भाग वा तातूंतले गट विनिर्दिश्ट करूं येतात.

(2) संसदेच्यान कायद्यां वरवीं खंयचीय जात, वंश वा जमाती वा खंयचीय जात, वंश वा जमाती हांचो भाग वा तातूंतलो गट पोटकलम (1) खाला काडिल्ले अधिसुचोवणेंत विनिर्दिश्ट केल्ल्या अनुसुचीत जातींचे वळेरेंत आसपावीत करूं येता वा तातूंतल्यान काडून उडोवं येता, पूण उक्त पोटकलमा खाला काडिल्ले अधिसुचोवणेंत उपरांतचे खंयचेय अधिसुचोवणे वरवीं पुर्वोक्ता प्रमाणें आसत ताचे परस वेगळो फरक करचे नात.

**342. अनुसुचीत जमाती.**—(1) राष्ट्रपतीच्यान [4][खंयच्याय राज्याच्या [3][वा केंद्रशासीत प्रदेशा] संबंदांत, आनी तें [5]*** राज्य आसत जाल्यार ताच्या राज्यपालाचो विचार घेतल्या उपरांत जाहीर अधिसुचोवण्यां[6] वरवीं त्या राज्यांत [3][वा जशें आसत तशें, केंद्रशासीत प्रदेशांत] ह्या संविधानाच्या प्रयोजना खातीर अनुसुचीत जमाती म्हूण मानतले. त्यो जमाती वा जमातीं समाज वा तांचे भाग वा जमातींतले समूह वा जमातीं समाज, तातूंतले गट विनिर्दिश्ट करूं येतात.]

(2) संसदेच्यान कायद्यां वरवीं खंयचीय जमात वा जमातीं समाज वा खंयचीय जमात वा जमातीं समाज हांचे भाग वा तातूंतले गट पोटकलम (1) खाला काडिल्ले अधिसुचोवणेंत विनिर्दिश्ट केल्ले अनुसुचीत जमातींचे वळेरेंत आसपावीत करूं येता वा तातूंतल्यान काडून उडोवं येता, पूण उक्त पोटकलमा खाला काडिल्ले अधिसुचोवणेंत उपरांतचे खंयचेय अधिसुचोवणे वरवीं पुर्वोक्ता प्रमाणें आसत ताचे परस वेगळो फरक करचे नात.

---

[1] कित्तो- संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "वा राजप्रमूख" हीं उतरां काडलीं.

[2] संविधान (अनुसुचीत जाती) आदेश, 1950 (C.O. 19), संविधान (अनुसुचीत जाती) (केंद्रशासीत प्रदेश) आदेश, 1951 (C.O. 32), संविधान (जम्मू-काश्मीर) अनुसुचीत जाती आदेश 1956 (C.O. 52), संविधान (दादरा आनी नगर हवेली) अनुसुचीत जाती आदेश, 1962 (C.O. 64), संविधान (पुदुच्चेरी) अनुसुचीत जाती आदेश, 1964 (C.O. 68), संविधान (गोंय, दमण आनी दीव) अनुसुचीत जाती आदेश, 1968 (C.O. 81) आनी संविधान (सिक्कीम) अनुसुचीत जाती आदेश, 1978 (C.O. 110) पळोवचें.

[3] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[4] संविधान (पयलो बदल) अधिनेम, 1951, कलम 11 (18-6-1951 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "राज्याच्या राज्यपाला कडेन वा राजप्रमुखा कडेन मसलती उपरांत" हे सुवातेर घालें.

[5] कित्तो- संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं विशिश्ट उतरां काडलीं.

[6] संविधान (अनुसुचीत जनजाती) आदेश, 1950 (C.O. 22), संविधान (अनुसुचीत जनजाती) (केंद्रशासीत प्रदेश) आदेश, 1951 (C.O. 33), संविधान (अन्दमान आनी निकोबार द्विपसमूह) अनुसुचीत जनजाती आदेश, 1959 (C.O. 58), संविधान (दादरा आनी नगर हवेली) अनुसुचीत जनजाती आदेश, 1962 (C.O. 65), संविधान (अनुसुचीत जनजाती) (उत्तर प्रदेश) आदेश, 1967 (C.O. 78), संविधान (गोंय, दमण आनी दीव) अनुसुचीत जनजाती आदेश, 1968 (C.O. 82), संविधान (नागालॅण्ड) अनुसुचीत जनजाती आदेश, 1970 (C.O. 88) आनी संविधान (सिक्किम) अनुसुचीत जनजाती आदेश, 1978 (C.O. 111) पळोवचें.

[1][**342क. समाजीक आनी शिक्षणीक नदरेन मागास वर्ग.**—(1) राष्ट्रपती, खंयचेंय राज्य वा केंद्रशासीत प्रदेश हांच्या संदर्भांत आनी जंय तें राज्य आसा थंय त्या राज्याच्या राज्यपाला वांगडा सल्लो मसलत केल्या उपरांत भौशीक अधिसुचोवणे वरवीं [2][समाजीक आनी शिक्षणीक नदरेन मागास वर्गाच्यान स्पश्ट करूं येता अशी केंद्रीय वळेरी जी केंद्र सरकाराच्या उद्देशां खातीर आसा] त्या राज्याच्या वा केंद्रशासीत प्रदेशाच्या संदर्भांत यथास्थिती, समाजीक आनी शिक्षणीक नदरेन मागास वर्ग मानतले.

(2) संसद, विधी वरवीं, खंयच्याय समाजीक आनी शिक्षणीक नदरेन मागास वर्गांक पोटकलम (1) खाला जारी केल्ले अधिसुचोवणेंत स्पश्ट केल्ल्या समाजीक आनी शिक्षणीक नदरेन मागास वर्गाक केंद्रीय वळेरेंत आसपाव करूंक वा वगळावं येता, पूण वयले अधिसुचोवणेंत उल्लेख केल्ल्या पोटकलम खाला जारी केल्ल्या उपरांतचे अधिसुचोवणे वरवीं बदल करूंक मेळचो ना.]

[3][*फोडणिशी.*—पोटकलम (1) आनी (2) हांच्या प्रयोजनां खातीर “केंद्रीय वळेरी” हे अभिव्यक्तीचो अर्थ केंद्र सरकारान आनी ताच्या खातीर तयार केल्ल्या आनी सांबाळिल्ल्या समाजीक आनी शिक्षणीक नदरेन मागास वर्गांची वळेरी असो जाता.

(3) पोटकलम (1) आनी (2) हातूंत खंयचीय बाब आसली तरी, दर एक राज्य वा केंद्रशासीत प्रदेश हांच्यान घडये कायद्या प्रमाणें, स्वताच्या उद्देशां खातीर, समाजीक आनी शिक्षणीक नदरेन मागास वर्गांची वळेरी तयार करूं आनी सांबाळूं येता, जातूंत नोंदी, केंद्रीय वळेरेंतल्यान वेगळ्यो वेगळ्यो आसूं येतात.]

---

[1] संविधान (एकशें दोनावो बदल) अधिनेम, 2018, कलम 4 (15-8-2018 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 342क निविश्ट केलो.

[2] संविधान (एकशें पांचावो बदल) अधिनेम, 2021, कलम 3 (15-9-2021 हे तारखे सावन लागू) वरवीं “समाजीक आनी शिक्षणीक नदरेन मागास वर्ग जे संविधानाच्या उद्देशां खातीर आसा” हे सुवातेर घालें.

[3] संविधान (एकशें पांचावो बदल) अधिनेम, 2021, कलम 3 (15-9-2021 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

# भाग XVII

# राजभास

## प्रकरण I.—संघराज्याची भास

**343. संघराज्याची राजभास.**—(1) संघराज्याची राजभास देवनागरी लिपयेंतली हिंदी आसतली. संघराज्याच्या शासकी प्रयोजनां खातीर वापरपाच्या संख्यांकांचें रूप हें भारतीय संख्यांकांचें आंतरराष्ट्रीय रूप आसतलें.

(2) पोटकलम (1) हातूंत कितेंय आसलें तरी, ह्या संविधानाच्या आरंभा सावन पंदरा वर्सांच्या काळा मेरेन, संघराज्याच्या ज्या शासकी प्रयोजनां खातीर अश्या आरंभाच्या निकटपूर्व इंग्लीश भास वापरताले त्या सगल्यां खातीर तिचो वापर चालू उरतलो:

ताका शर्त अशी कीं, राष्ट्रपतीच्यान उक्त काळा भितर आदेश[1] वरवीं, संघराज्याच्या शासकी प्रयोजनांतल्या खंयच्याय प्रयोजना खातीर इंग्लीश भाशे वांगडाच हिंदी भाशेचो आनी भारतीय संख्यांकांच्या आंतरराष्ट्रीय रुपा वांगडा संख्यांकांच्या देवनागरी रुपाचो वापर प्राधिकृत करूं येता.

(3) ह्या अनुच्छेदांत कितेंय आसलें तरी, संसदेच्यान कायद्या वरवीं उक्त पंदरा वर्सांच्या काळा उपरांत, त्या कायद्यांत विनिर्दिश्ट करतले अश्या प्रयोजनां खातीर—

(क) इंग्लीश भाशेचो; वा

(ख) संख्यांकांच्या देवनागरी रुपाचो,

वापर करपा खातीर तरतूद करूं येता.

**344. राजभाशे खातीर आयोग आनी संसदीय समिती.**—(1) राष्ट्रपती ह्या संविधानाच्या आरंभा सावन पांच वर्सां सोंपतकूच आनी त्या उपरांत अशा आरंभा सावन धा वर्सां सोंपतकूच, आदेशा वरवीं एक आयोग घडीत करतलो आनी अध्यक्ष तशेंच आठवे अनुसुचींत विनिर्दिश्ट केल्ल्या वेगळ्या-वेगळ्या भाशांचें प्रतिनिधित्व करपी जे वांगडी राष्ट्रपती नेमीत अशे हेर वांगडी मेळून तो आयोग घडयिल्लो आसतलो, आनी त्या आदेशा वरवीं आयोगान आपणावपाची कार्यपद्दत निश्चीत करतले.

(2) (क) संघराज्याच्या शासकी प्रयोजना खातीर हिंदी भाशेचो दिसानदीस चड वापर;

(ख) संघराज्याच्या सगल्या वा तातूंतल्या खंयच्याय शासकी प्रयोजनां खातीर इंग्लीश भाशेचो वापर करपाचेर निर्बंध;

(ग) अनुच्छेद 348 हातूंत उल्लेखिल्ल्या सगल्या वा तातूंतल्या खंयच्याय प्रयोजना खातीर वापरपाची भास;

---

[1] C.O. 41 पळोवचें.

(घ) संघराज्याच्या कसल्याय एका वा चड विनिर्दिश्ट प्रयोजना खातीर वापरपाच्या संख्यांकांचें रूप;

(ङ) संघराज्याची राजभास आनी संघराज्य तशेंच खंयचेंय राज्य हांचे मदल्या वा राज्यां मदल्या संपर्काची भास आनी तांचो वापर हांचे विशीं राष्ट्रपतीन आयोगा कडेन निर्देशिल्ली हेर कसलीय बाब. हांचे संबंदांत राष्ट्रपतीक शिफारशी करप हें ह्या आयोगाचें कर्तव्य आसतलें.

(3) पोटकलम (2) खाला आपल्यो शिफारशी करतना हो आयोग भारताची उद्देगीक, संस्कृतीक आनी विज्ञानीक अभिवृद्धी आनी लोकसेवा हांचे विशीं अहिंदी भाशीक क्षेत्रांतल्या व्यक्तींचे न्याय्य हक्क आनी हितसंबंद फावो ते तरेन लक्षांत घेतलो.

(4) तीस वांगडी मेळून एक समिती घडयतले आनी तातूंतले वीस लोकसभेचे वांगडी आसतले आनी धा राज्यसभेचे वांगडी आसतले आनी ते अनुक्रमान लोकसभेचे वांगडी आनी राज्यसभेचे वांगडी हांकां प्रमाणशीर प्रतिनिधित्व पद्दती प्रमाणें एकल संक्रमणीय मता वरवीं वेंच्चे पडटले.

(5) पोटकलम (1) खाला घडयिल्ल्या आयोगाच्या शिफारशींची तपासणी करप, आनी ताचे वयलें आपणालें मत नोंद करपी अभिप्राय राष्ट्रपतीक कळोवप हें समितीचें कर्तव्य आसतलें.

(6) अनुच्छेद 343 हातूंत कितेंय आसलें तरी, पोटकलम (5) हातूंत निर्दिश्ट केल्ल्या अभिप्रायाचो विचार केल्या उपरांत राष्ट्रपतीच्यान त्या संपूर्ण अभिप्रायाक वा ताच्या खंयच्याय भागाक अनुसरून निर्देश दिवं येता.

## प्रकरण II.—प्रादेशीक भासो

**345. राज्याची राजभास वा राज्याच्यो राजभासो.**—अनुच्छेद 346 आनी 347 हांच्या उपबंधांचे अधीनतायेन राज्याच्या विधीमंडळाच्यान राज्यांत वापरांत आशिल्ले खंयचेय एके वा चड भाशांचो वा हिंदीचो त्या राज्याच्या सगल्या वा तातूंतल्या खंयच्याय शासकी प्रयोजना खातीर वापरपाची भास वा वापरपाच्यो भासो म्हूण कायद्या वरवीं स्विकारूं येताः

ताका शर्त अशी कीं, राज्य विधीमंडळ कायद्या वरवीं दुसरे तरेन उपबंध करी मेरेन, त्या राज्यांत ह्या संविधानाचे निकटपूर्व ज्या शासकी प्रयोजनां खातीर इंग्लीश भास वापरताले तांचे खातीर तिचो वापर चालू उरतलो.

**346. राज्या राज्यां मदली वा राज्य आनी संघराज्य हांचे मदल्या संपर्काची राजभास.**—संघराज्यांत शासकी प्रयोजनां खातीर त्या-त्या काळांत प्राधिकृत जाल्ली भास ही राज्या राज्यां मदली आनी खंयचेंय राज्य आनी संघराज्य हांचे मदली संपर्काची राजभास आसतलीः

ताका शर्त अशी कीं, जर दोन वा चड राज्यांनी हिंदी भास ही अश्या राज्यां मदल्या संपर्काची राजभास आसची अशें एकमतान थारायलें जाल्यार, ती भास अशा संपर्का खातीर वापरूं येता.

**347. राज्याचे लोकसंख्ये भितरल्या खंयच्याय वर्गा कडल्यान उलोवपाची भास म्हूण वापर जाता अशे भाशे विशीं खाशेलो उपबंध.**—तशी मागणी आयली जाल्यार खंयच्याय राज्यांतल्या भरीव प्रमाणांतले लोकसंख्येची ती उलोवपांत वापरतात अशे खंयचेय भाशेच्या वापराक त्या राज्या कडल्यान मान्यताय मेळची अशी इत्सा आसा हे विशीं राष्ट्रपतीची खात्री जाली जाल्यार, तो विनिर्दिश्ट करतलो अश्या प्रयोजना खातीर त्या राज्यांत सगले कडेन वा ताच्या खंयच्याय भागांत अशे भाशेक अधिकृत रितीन मान्यताय मेळची अशें ताच्यान निर्देशीत करूं येता.

## प्रकरण III.—सर्वोच्च न्यायालय, उच्च न्यायालयां, आदी हांची भास

**348. सर्वोच्च न्यायालयांत आनी उच्च न्यायालयां भितर आनी अधिनेम, विधेयकां, आदी हांचे खातीर वापरपाची भास.**—(1) ह्या भागाच्या पुर्वगामी उपबंधांनी कितेंय आसलें तरी, संसदेच्यान कायद्या वरवीं हेर तरेन उपबंधे करी मेरेन—

(क) सर्वोच्च न्यायालयांतली आनी दर एका उच्च न्यायालयांतली सगली कार्यवाही;

(ख) (i) संसदेच्या दोनां भितरल्या खंयच्याय सभाघरांत वा राज्य विधीमंडळाच्या सभाघरांत वा दोनां भितरल्या खंयच्याय सभाघरांत मांडपाचीं सगलीं विधेयकां वा तांचेर करपाचे बदल हांचे;

(ii) संसदेन वा राज्य विधीमंडळान पास केल्ल्या सगल्या अधिनेमांचे आनी राष्ट्रपतीन वा राज्याच्या राज्यपालान [1]*** प्रख्यापीत केल्ल्या सगल्या अध्यादेशांचे; आनी

(iii) ह्या संविधाना खाला वा संसदेन वा राज्य विधीमंडळान केल्ल्या खंयच्याय कायद्या खाला काडिल्ले सगले आदेश, नियम, विनेम आनी पोटनेम हांचे,

प्राधिकृत मजकूर इंग्लीश भाशेंत आसतले.

(2) पोटकलम (1)चें उप-पोटकलम (क) हातूंत कितेंय आसलें तरी, राज्याच्या राज्यपालाच्यान [1]*** राष्ट्रपतीचे पूर्व-संमतीन, त्या राज्यांत जाचें मुख्य कार्यस्थान आसतलें अश्या उच्च न्यायालयांतल्या कामकाजांत हिंदी भाशेचो वा त्या राज्याच्या कसल्याय शासकी प्रयोजना खातीर वापरांत येवपी हेर खंयचेय भाशेचो वापर प्राधिकृत करूं येता:

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "वा राजप्रमूख" हीं उतरां काडलीं.

ताका शर्त अशी कीं, अश्या उच्च न्यायालयान दिल्लो वा केल्लो कसलोय न्यायनिर्णय, हुकूमनामो वा आदेश हाका ह्या पोटकलमांतली खंयचीच बाब लागू आसची ना.

(3) पोटकलम (1)च्या उप-पोटकलम (ख) हातूंत कितेंय आसलें तरी, जंय खंयच्याय राज्याच्या विधीमंडळान त्या राज्यांत विधीमंडळांत मांडटात तीं विधेयकां वा ताचे कडल्यान पास जातात ते अधिनेम हातूंत वा राज्याच्या राज्यपाला कडल्यान [1]*** प्रख्यापीत जातात त्या अध्यादेशांनी वा उक्त उप-पोटकलमाचो परिच्छेद (iii) हातूंत निर्दिश्ट केल्लो कसलोय आदेश, नेम, विनेम वा पोटनेम हातूंत वापरपा खातीर इंग्लीश भाशे परस वेगळी खंयचीय भास विहीत केल्ली आसत थंय, त्या राज्याच्या राज्यपालाच्यान [1]*** प्राधिकाराच्या अन्वयान त्या राज्याच्या राजपत्रांत उजवाडायिल्लो ताचो इंग्लीश भाशेंतलो प्राधिकृत मजकूर आसा अशें मानतले.

**349. भाशे संबंदींचे विशिश्ट कायदे करपा खातीर खाशेली कार्यपद्दत.**—ह्या संविधानाच्या आरंभा सावन पंदरा वर्सांच्या काळा भितर, अनुच्छेद 348चें पोटकलम (1) हातूंत उल्लेखिल्ल्यां मदल्या खंयच्याय प्रयोजना खातीर वापरपाचें भाशे संबंदांतलें तरतूद करपी कसलेंय विधेयक वा बदल संसदेच्या दोनां मदल्या खंयच्याय सभाघरांत राष्ट्रपतीचे पूर्वमान्यताये बगर मांडचे नात, आनी राष्ट्रपतीन अनुच्छेद 344च्या पोटकलम (1) खाला घडीत केल्ल्या आयोगाच्यो शिफारशी आनी त्या अनुच्छेदाच्या पोटकलम (4) खाला घडीत केल्ले समितेचो अभिप्राय विचारांत घेतल्या बगर राष्ट्रपती अशें कसलेंच विधेयक मांडपाक वा असलो कसलोच बदल मांडपाक मान्यताय दिवचो ना.

## प्रकरण IV.—खाशेलीं निदेशकां

**350. कागाळींच्या निवारणा खातीर केल्ल्या अभिवेदनांनी वापरपाची भास.**—दर एक व्यक्ती कसलेय कागाळीच्या निवारणा खातीर संघराज्याच्या वा राज्याच्या खंयच्याय अधिकाऱ्या कडेन वा प्राधिकरणा कडेन, जशें आसत तशें, संघराज्यांत वा त्या राज्यांत वापरतात त्या भाशां मदले खंयचेय भाशेंत तक्रार मांडपाक हक्कदार आसतलो.

[2][**350क. मुळाव्या पांवड्यार मायभाशेंतल्यान शिक्षणाचीं सोंपेपणां.**—दर एक राज्य आनी राज्यांतलें दर एक थळावें प्राधिकरण भाशीक अल्पसंख्यांक समाजांतल्या भुरग्यांक शिक्षणाच्या मुळाव्या पांवड्यार मायभाशेंतल्यान शिक्षण दिवपाची फावोशीं सोंपेपणां मेळोवन दिवपा खातीर प्रयत्नशील रावतलें, आनी अशीं सोंपेपणां मेळोवन दिवप जमचें हे खातीर राष्ट्रपतीच्यान स्वताक गरजेचे आनी योग्य दिसतीत अशे निदेश दिवं येतात.

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "वा राजप्रमूख" हीं उतरां काडलीं.

[2] कित्तो- कलम 21 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 350क आनी 350ख निविश्ट केलीं.

**350ख. भाशीक अल्पसंख्यांक समाजां खातीर खाशेलो अधिकारी.**—(1) भाशीक अल्पसंख्यांक समाजां खातीर एक खाशेलो अधिकारी आसतलो आनी राष्ट्रपतीन ताची नेमणूक करपाची.

(2) भाशीक अल्पसंख्यांक समाजां खातीर ह्या संविधाना खाला उपबंध केल्ल्या संरक्षक तरतुदीं संबंदींच्या सगल्या बाबींचो सोद-तपास करप आनी राष्ट्रपती निर्देशीत करतलो अशा कालांतरा कणकणीं त्या बाबीं संबंदीं राष्ट्रपतीक अहवाल दिवप हें खाशेल्या अधिकाऱ्याचें कर्तव्य आसतलें, आनी राष्ट्रपती अशे सगले अहवाल संसदेच्या दर एका सभाघरा मुखार दवरपाची आनी संबंदीत राज्यांच्या सरकारा कडेन धाडपाची तजवीज करतलो.]

**351. हिंदी भाशेच्या विकासा खातीर निर्देशक.**—हिंदी भाशेचो प्रसार वाडोवप, ती भारताचे संमिश्र संस्कृतायेच्या सगल्या घटकावयवांक अभिव्यक्तींचें माध्यम म्हूण उपकरा पडटली अशे रितीन तिचो विकास करप, तिचे प्रकृतीक बादा हाडिनासतना, हिंदुस्थानी आनी आठवे अनुसुचींत विनिर्दिश्ट केल्ल्यो हेर भारतीय भासो हांचे भितर वापरतात तीं रुपां, शैल्यो आनी शब्दप्रयोग आसपावन घेवन आनी जंय जंय गरजेचें आनी योग्य आसत थंय-थंय तिच्या शब्दसंग्रहाक मुखेलपणान संस्कृत भाशेचो आनी गौणटायेन हेर भाशांचो अवलंब करून तिची समृद्धी सादप हें संघराज्याचें कर्तव्य आसतलें.

# भाग XVIII
# आणिबाणी संबंदीं उपबंध

**352. आणिबाणीची उद्घोशणा.**—(1) भारताची वा ताच्या राज्यक्षेत्राच्या खंयच्याय भागाची सुरक्षीतताय जाका लागून घाताक पडल्या, मागीर ती झुजाक लागून आसूं, परकी आगळिकेक लागून आसूं वा [1][सशस्त्र बंडाक] लागून आसूं - अशी गंभीर आणिबाणी अस्तित्वांत आसा अशी राष्ट्रपतीची खात्री जाली जाल्यार, ताच्यान उद्घोशणे वरवीं [2][संपूर्ण भारताच्या वा ताच्या राज्यक्षेत्रां मदले उद्घोशणेंत विनिर्दिश्ट करतले अश्या भागाच्या संबंदांत] अशा आशयाची उद्घोशणा करूं येता.

[3][ *फोडणिशी.*—झूज, परकी आगळीक वा सशस्त्र बंड हांचो निकटवर्ती घात आसा अशी राष्ट्रपतीची खात्री जाली जाल्यार, भारताची वा ताच्या राज्यक्षेत्राच्या खंयच्याय भागाची सुरक्षीतताय झुजाक लागून वा परकी आगळिकेक लागून वा सशस्त्र बंडाक लागून घाताक पडल्या अशें घोशीत करपी आणिबाणीची उद्घोशणा तें झूज वा अशी कसलीय परकी आगळीक वा बंड प्रत्यक्षांत येवचे पयलीं करूं येता.]

[4][(2) पोटकलम (1) खाला प्रसृत केल्ली उद्घोशणा उपरांतचे उद्घोशणे वरवीं बदलूं येता वा फाटीं घेवं येता.

(3) पोटकलम (1) खालची उद्घोशणा वा अशे उद्घोशणेंत बदल करपी उद्घोशणा काडची असो संघराज्याच्या मंत्रीमंडळाचो (म्हणल्यारूच, अनुच्छेद 75 खाला नेमिल्ले प्रधानमंत्री आनी हेर मंत्रीमंडळ पांवड्याचे मंत्री धरून घडटा) निर्णय राष्ट्रपतीक लेखी कळयले बगर, राष्ट्रपती अशी उद्घोशणा प्रसृत करचो ना.

(4) ह्या अनुच्छेदा खाला प्रसृत केल्ली दर एक उद्घोशणा संसदेच्या दर एका सभाघरा मुखार दवरतले आनी ती उद्घोशणा पयलींचे उद्घोशणेक फाटीं घेवपी आसल्यार तितली बाब सोडून हरशीं, एक म्हयनो सोंपना फुडें ती उद्घोशणा लागू आसपाचें बंद जातलें, मात तितलो काळ सोंपचे पयलीं संसदेच्या दोनूय सभाघरांच्या थारावां वरवीं तिका मान्यताय दिल्ली आसत जाल्यार, बाब वेगळी:

---

[1] संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 37 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "अंतर्गत अस्वस्थताय" हे सुवातेर घालें.

[2] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 48 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[3] संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 37 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[4] कित्तो- कलम 37 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं पोटकलम (2), (2क) आनी (3) हांचे सुवातेर घालें.

ताका शर्त अशी कीं, जर अशी कसलीय उद्धोशणा (पयलींची उद्धोशणा फाटीं घेवपी उद्धोशणा न्हय) लोकसभा जेन्ना बरखास्त जाल्ली आसा अशा काळांत प्रसृत जाली, वा ह्या पोटकलमांत निर्दिश्ट केल्ल्या एका म्हयन्याच्या काळा भितर लोकसभेचें सभाघर बरखास्त जालें जाल्यार, आनी जर तो कालावधी सोंपचे पयलीं राज्यसभेन उद्धोशणेक मान्यताय दिवपी थाराव पास केला आसत, पूण लोकसभेन अशे उद्धोशणे संबंदीं कसलोच थाराव पास केल्लो नासत जाल्यार, लोकसभा तिचे पुनर्घटणे उपरांत सगल्यांत पयलीं जे तारखेक भरतली ते तारखे सावन तीस दीस सोंपना फुडें ती उद्धोशणा लागू आसपाचें बंद जातलें, मात उक्त तीस दिसांचो कालावधी सोंपचे पयलीं ते लोकसभेनूय ते उद्धोशणेक मान्यताय दिवपी थाराव पास केला आसत जाल्यार, बाब वेगळी.

(5) हे तरेन मान्यताय दिल्ली उद्धोशणा, ती फाटीं घेतली ना जाल्यार, पोटकलम (4) खाला उद्धोशणेक मान्यताय दिवपी थारावां मदलो दुसरो थाराव पास जाल्ल्याचे तारखे सावन स म्हयन्यांचो कालावधी सोंपना फुडें लागू आसपाचें बंद जातलें:

ताका शर्त अशी कीं, अशे कसलेय उद्धोशणेचो अंमल चालू उरपाक मान्यताय दिवपी थाराव संसदेच्या दोनूय सभाघरांनी पास जायत जाल्यार आनी तेन्ना तेन्ना, ती उद्धोशणा फाटीं घेतली ना जाल्यार, ह्या पोटकलमा खाला हरशीं जे तारखेक लागू आसपाचें बंद जातलें आशिल्लें ते तारखे सावन आनीक स म्हयन्यांच्या कालावधी मेरेन ती अंमलांत आसपाचें चालू उतरलें:

ताका आनीक शर्त अशी कीं, जर अशा खंयच्याय स म्हयन्यांचे कालावधींत लोकसभा बरखास्त जाली आनी उक्त कालावधींत राज्यसभेन अशे उद्धोशणेचो अंमल चालू उरपाक मान्यताय दिवपी थाराव पास केल्लो नासत जाल्यार, लोकसभा तिचे पुनर्घटणे उपरांत पयलेच फावटीं जे तारखेक भरतली त्या दिसा सावन तीस दीस सोंपना फुडें ती उद्धोशणा लागू आसपाचें बंद जातलें मात उक्त तीस दिसांचो कालावधी सोंपचे पयलीं लोकसभेनूय ते उद्धोशणेचो अंमल चालू उरपाक मान्यताय दिवपी थाराव पास केल्लो आसल्यार बाब वेगळी.

(6) पोटकलम (4) आनी (5) हांच्या प्रयोजना खातीर, कसलोय थाराव संसदेच्या खंयच्याय सभाघराच्यान फकत त्या सभाघराचे वट्ट वांगडी संख्येच्या भोवमतान आनी त्या सभाघरांतल्या हाजीर आशिल्ल्या आनी मतदान करपी वांगड्यांतल्या उण्याच त्या दोन-तृतियांश वांगड्यांच्या भोवमतान पास करूं येता.

(7) पुर्वगामी पोटकलमांच्या उपबंधांनी कितेंय आसलें तरी, पोटकलम (1) खाला प्रसृत केल्ली उद्धोशणा वा अशे उद्धोशणेंत बदल करपी उद्धोशणा अमान्य करपी, वा जशें आसत तशें, ते उद्धोशणेचो अंमल चालू दवरप अमान्य करपी थाराव लोकसभेन पास केलो जाल्यार, राष्ट्रपती अशी उद्धोशणा फाटीं घेतलो.

(8) पोटकलम (1) खाला प्रसृत केल्ली उद्घोशणा वा अशे उद्घोशणेंत बदल करपी उद्घोशणा अमान्य करपी वा, जशें आसत तशें, ते उद्घोशणेचो अंमल चालू दवरप अमान्य करपी थाराव मांडपाचो आपणालो उद्देश आसा अशी लोकसभेच्या वट्ट वांगड्यां मदल्या उण्याच त्या एक-दशांश इतल्या वांगड्यांनी निशाणी केल्ली नोटीस,—

(क) सभाघर सत्रासीन आसत जाल्यार, अध्यक्षांक; वा

(ख) सभाघर सत्रासीन नासत जाल्यार, राष्ट्रपतीक,

दिल्या आसत त्या संबंदांत, अशी नोटीस अध्यक्षाक वा, जशें आसत तशें, राष्ट्रपतीक मेळिल्ल्याचे तारखे सावन चवदा दिसां भितर, थारावाचेर विचार करपा खातीर सभाघराची खाशेली बसका आपयतले.]

[1][(9) ह्या अनुच्छेदा वरवीं राष्ट्रपतीक प्रदान केल्ल्या अधिकारां मदीं, झूज वा परकी आगळीक वा [2][सशस्त्र बंड] वा झूजाचो वा परकी आगळीक वा [2][सशस्त्र बंडाचें] निकटवर्ती अरिश्ट, अश्या वेगळ्या-वेगळ्या कारणां वयल्यान वेगळ्यो वेगळ्यो उद्घोशणा प्रसृत करपाच्या अधिकाराचो आसपाव जातलो, मागीर पोटकलम (1) वरवीं राष्ट्रपतीन अशी उद्घोशणा पयलींच प्रसृत केल्ली आसूं वा नासूं आनी अशी उद्घोशणा लागू आसूं वा नासूं.

[1]* * * * * * * *

**353. आणिबाणीचे उद्घोशणेचो परिणाम.**—जेन्ना आणिबाणीची उद्घोशणा लागू आसतली तेन्ना—

(क) ह्या संविधानांत कितेंय आसलें तरी, खंयच्याय राज्याक ताणें आपणाल्या शासनाधिकाराचो वापर कशे रितीन करचो ते विशीं निर्देश दिवप हें संघराज्याच्या शासनाधिकाराचे व्याप्तेंत येतलें;

(ख) कसलेय बाबी संबंदीं कायदो करपाच्या संसदेच्या अधिकाराक, ती बाब संघराज्याचे वळेरेंत नोंद केल्ली नासली तरीय, ताचे संबंदीं संघराज्य वा संघराज्याचे अधिकारी आनी प्राधिकरणां हांकां अधिकार प्रदान करपी आनी तांकां कर्तव्यां नेमून दिवपी वा अधिकार प्रदान करप आनी कर्तव्यां नेमून दिवप हे प्राधिकृत करपी कायदे लागू करपाचो अधिकार आसपावीत आसतलो:

---

[1] संविधान (आठ्ठीसावो बदल) अधिनेम, 1975, कलम 5 (पूर्वलक्षी प्रभावान) वरवीं पोटकलम (4) आनी (5) निविश्ट केल्लें आनी उपरांत पोटकलम (4) हे पोटकलम (9) अशे फेरअंकीकृत केल्लें आनी संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 37 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं पोटकलम (5) काडलें.

[2] कित्तो- कलम 37 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "अंतर्गत अशांतता" हे सुवातेर घालें.

[1][ताका शर्त अशी कीं, जेन्ना आणिबाणीची उद्धोशणा भारताच्या राज्यक्षेत्राच्या फकत खंयच्याय एका भागांत लागू आसतली तेन्ना,—

(i) संघराज्याचो पोटकलम (क) खाला निर्देश दिवपाचो शासनाधिकार, आनी

(ii) संसदेचो पोटकलम (ख) खाला कायदे करपाचो अधिकार,

भारताच्या राज्यक्षेत्रांतल्या ज्या भागांत आणिबाणीची उद्धोशणा लागू आसत थंयची वा ताचे संबंदांतले हालचालींक लागून भारताची वा ताच्या राज्यक्षेत्राच्या खंयच्याय भागाची सुरक्षीतताय घाताक पडिल्ली आसत जाल्यार तितले मर्यादे मेरेन, ज्या राज्यांत वा ताच्या खंयच्याय भागांत आणिबाणीची उद्धोशणा लागू आसत ताचे परस हेर खंयच्याय राज्यांत लेगीत विस्तारीत जातली.]

**354. म्हासुलांच्या वितरणा संबंदींचे उपबंध हे आणिबाणीची उद्धोशणा लागू आसतनाय चालू उरप.**—(1) आणिबाणीची उद्धोशणा लागू आसता तेन्ना राष्ट्रपतीच्यान आदेशा वरवीं, अनुच्छेद 268 ते 279 हांचे सगले वा तांचे भितरले खंयचोय उपबंध ताका योग्य दिसतीत अश्या आडवादां सयत वा आपरिवर्तनां सयत, आदेशांत विनिर्दिश्ट करतले अशा कालावधी मेरेन परिणामक जातले अशें निर्देशीत करूं येता, मात कितेंय जालें तरी ज्या अर्थीक वर्सांत अशी उद्धोशणा लागू आसपाचें थांबतलें त्या वर्साचे समाप्ते उपरांत तो कालावधी लांबचो ना.

(2) पोटकलम (1) खाला केल्लो दर एक आदेश, तो केल्या उपरांत, जाता तितले बेगीन, संसदेच्या दर एका सभाघरा मुखार दवरतले.

**355. परकी आगळीक आनी अंतर्गत अशांतताय हांचे पसून राज्याची राखण करप हें संघराज्याचें कर्तव्य.**—परकी आगळीक आनी अंतर्गत अशांतताय, हांचे पसून दर एका राज्याची राखण करप आनी दर एका राज्याचें सरकार ह्या संविधानाच्या उपबंधां प्रमाणें चलयतले हाची निश्चिती करप हें संघराज्याचें कर्तव्य आसतलें.

**356. राज्यांतली संविधानीक यंत्रणां बंद पडल्यार ते संबंदांत उपबंध.**—(1) जर खंयच्याय राज्याचें सरकार ह्या संविधानाच्या उपबंधां प्रमाणें चलोवप जमना अशी परिस्थिती उप्राशिल्ली आसा हे संबंदीं, त्या राज्याच्या राज्यपाला कडल्यान [2]*** अहवाल मेळिल्ल्यान वा हेर तरेन राष्ट्रपतीची खात्री जाली जाल्यार, राष्ट्रपतीच्यान उद्धोशणे वरवीं—

---

[1] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 49 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं जोडलें.

[2] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "वा राजप्रमूख" हीं उतरां काडलीं.

(क) त्या राज्य सरकाराचीं सगलीं वा ताचे भितरलीं कसलींय कार्यां आनी राज्यपाल [1]*** वा राज्यांतल्या राज्य विधीमंडळा परस हेर वेगळे निकाय वा प्राधिकरण हांचे ठांय निहीत आशिल्ले वा ताच्यान वापरूं येतात अशे अनुशंगीक आनी परिणामी अधिकार आपणा कडेन घेवं येतात;

(ख) त्या राज्याच्या विधीमंडळाचे अधिकार संसदे कडल्यान वा तिच्या प्राधिकरणा वरवीं वापरतले अशें घोशीत करूं येता;

(ग) त्या राज्यांतलो खंयचोय निकाय वा खंयचेंय प्राधिकरण हाचे कडेन संबंदीत आशिल्ल्या, ह्या संविधानाच्या खंयच्याय उपबंधाचें प्रवर्तन पुरायेन वा अंशतायेन निलंबीत करपी तरतूद धरून, उद्घोशणेचीं उद्धिश्टां अंमलांत हाडपा खातीर राष्ट्रपतीच्यान गरजेचे वा योग्य दिसतीत अशी अनुशंगीक आनी परिणामी तरतूद करूं येता:

ताका शर्त अशी कीं, उच्च न्यायालयाचे ठांय विहीत आशिल्ल्या वा ताच्यान वापरूं येतात अश्या अधिकारां भितरले खंयचेच अधिकार स्वता कडेन घेवपाक वा उच्च न्यायालयां कडेन संबंदीत आशिल्ल्या, ह्या संविधानांतले खंयचेय उपबंध प्रवर्तन पुरायेन वा अंशतायेन निलंबीत करपाक ह्या पोटकलमांतले खंयचेच बाबीक लागून राष्ट्रपती प्राधिकृत जावचो ना.

(2) अशी कसलीय उद्घोशणा, उपरांतचे उद्घोशणे वरवीं फाटीं घेवं येता वा बदलूं येता.

(3) ह्या अनुच्छेदा खालची दर एक उद्घोशणा संसदेच्या दर एका सभाघरा मुखार दवरतले आनी ती उद्घोशणा पयलींचे उद्घोशणेक फाटीं घेवपी उद्घोशणा आसल्यार तितली बाब सोडून हरशीं, दोन म्हयने सोंपना फुडेंच ती उद्घोशणा लागू आसपाचें बंद जातलें, मात तो कालावधी सोंपचे पयलीं संसदेच्या दोनूय सभाघरांच्या थारावां वरवीं तिका मान्यताय दिल्ली आसत जाल्यार बाब वेगळी:

ताका शर्त अशी कीं, जर अशी कसलीय उद्घोशणा (पयलींची उद्घोशणा फाटीं घेवपी उद्घोशणा न्हय) लोकसभा जेन्ना बरखास्त जाल्ली आसा अशा काळांत प्रसृत जाली वा ह्या पोटकलमांत निर्दिश्ट केल्ल्या दोन म्हयन्यांच्या कालावधींत लोकसभा बरखास्त जाली जाल्यार, आनी जर तो कालावधी सोंपचे पयलीं राज्यसभेन उद्घोशणेक मान्यताय दिवपी थाराव पास केला आसत, पूण लोकसभेन अशे उद्घोशणे संबंदीं कसलोच थाराव पास केल्लो नासत जाल्यार, लोकसभा तिचे पुनर्घटणे उपरांत पयलींच जे तारखेक भरतली ते तारखे सावन तीस दीस सोंपना फुडेंच ती उद्घोशणा लागू आसपाचें बंद जातलें, मात उक्त तीस दिसांचो कालावधी सोंपचे पयलीं ते लोकसभेनूय ते उद्घोशणेक मान्यताय दिवपी थाराव पास केला आसत जाल्यार, बाब वेगळी.

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "वा राजप्रमूख" हीं उतरां काडलीं.

(4) हे प्रमाणें मान्यताय दिल्ली उद्घोशणा, ती फाटीं घेतली ना जाल्यार, [1][उद्घोशणा प्रसृत जाल्याचे तारखे सावन स म्हयन्यांचो] कालावधी सोंपना फुडेंच लागू आसपाचें बंद जातलें:

ताका शर्त अशी कीं, अशे कसलेय उद्घोशणेचो अंमल चालू उरपाक मान्यताय दिवपी थाराव संसदेच्या दोनूय सभाघरां कडल्यान पास जायत जाल्यार आनी तेन्ना तेन्ना ती उद्घोशणा, ती फाटीं घेतली ना जाल्यार, ह्या पोटकलमा खाला हरशीं जे तारखेक लागू जावपाचें बंद जावपाचें ते तारखे सावन आनीक [2][स म्हयन्यांच्या] कालावधी मेरेन ती अंमलांत आसपाचें चालू उरतलें, पूण कसलीच उद्घोशणा कितेंय जालें तरी तीन वर्सां परस चड काळ अंमलांत उरची नाः

ताका आनीक शर्त अशी कीं, जर अशा खंयच्याय [2][स म्हयन्यांच्या] कालावधींत राज्यसभा बरखास्त जाली आनी उक्त कालावधींत राज्यसभेन अशे उद्घोशणेचो अंमल चालू उरपाक मान्यताय दिवपी थाराव पास केला आसत, पूण लोकसभेन अशे उद्घोशणेचो अंमल चालू उरपा संबंदीं कसलोच थाराव पास केल्लो नासत जाल्यार, लोकसभा तिचे पुनर्घटणे उपरांत, पयले फावटीं जे तारखेक भरतली ते तारखे सावन तीस दीस सोंपना फुडेंच ती उद्घोशणा लागू आसपाचें बंद जातलें, मात उक्त तीस दिसांचो कालावधी सोंपचे पयलीं ते लोकसभेनूय ते उद्घोशणेचो अंमल चालू उरपाक मान्यताय दिवपी थाराव पास केला आसत जाल्यार बाब वेगळी:

[3][ताका आनिकूय शर्त अशी कीं, जी उद्घोशणा 11 मे, 1987 ह्या दिसा पोटकलम (1)चे सकयल पंजाब राज्याक धरून भायर घाली, ह्या पोटकलमांत "तीन वर्सां" हाका धरून पोटकलमाच्या पयल्या परंतुकांत उल्लेख केल्लो तो [4][पांच वर्सां]चो संदर्भ अशें धरतले.]

---

[1] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 50 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "स म्हयने" हे सुवातेर घालें आनी उपरांत संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 38 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पोटकलम (3) अंतर्गत उद्घोशणाक मान्यताय दिवपी थारावणी मदली दुसरी मंजूर केल्ले तारखे सावन एक वर्स मेरेन" हे सुवातेर घालें.

[2] कित्तो- कलम 50 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "स म्हयने" हे सुवातेर घालें आनी उपरांत कित्तो- कलम 38 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुक्रमान "एक वर्स" हे सुवातेर घालें.

[3] संविधान (चवसठावो बदल) अधिनेम, 1990, कलम 2 (16-4-1990 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[4] संविधान (सातसठावो बदल) अधिनेम, 1990, कलम 2 (4-10-1990 हे तारखे सावन लागू) वरवीं घालें आनी उपरांत संविधान (आठसठावो बदल) अधिनेम, 1991, कलम 2 (12-3-1991 हे तारखे सावन लागू) वरवीं घालें.

[1][(5) पोटकलम (4) हातूंत कितेंय आसलें तरी, पोटकलम (3) खाला मान्यताय दिल्ले उद्घोशणेचो अंमल, अशी उद्घोशणा प्रसृत केल्ल्याचे तारखे सावन एक वर्स उलगले उपरांतच्या कालावधींत चालू दवरपा संबंदींचो थाराव पास करपाचो आसल्यार—

(क) असो थाराव पास करपाच्या वेळार पुराय भारतांत वा, जशें आसत तशें, पुराय राज्यांत वा ताच्या खंयच्याय भागांत आणिबाणीची उद्घोशणा लागू आसा, आनी

(ख) संबंदीत राज्याच्यो विधानसभेच्यो वेंचणुको घेवपांतल्या अडचणींक लागून, पोटकलम (3) खाला मान्यताय दिल्ले उद्घोशणेचो अंमल अशा थारावांत विनिर्दिश्ट केल्ल्या कालावधींत चालू दवरप गरजेचें आसा अशें वेंचणूक आयोगान प्रमाणीत केला,

अशें जाले बगर संसदेच्या खंयच्याच सभाघराक असो थाराव पास करूंक मेळचो ना:]

[2][ताका शर्त अशी कीं, पंजाब राज्या संबंदीं, 11 मे, 1987 ह्या दिसा पोटकलम (1)चे अधीनतायेन लागू केल्ली उद्घोशणा मतींत घेवन, ह्या पोटकलमांत समाप्ती उपरांतचो खंयचोय काळ त्या निर्देशाच्या रुपान लायतले.]

**357. अनुच्छेद 356 खाला प्रसृत जाल्ले उद्घोशणे खाला वैधानीक अधिकारांचो वापर.**—(1) अनुच्छेद 356च्या पोटकलम (1) खाला प्रसृत केल्ले उद्घोशणे वरवीं, राज्याच्या विधीमंडळाचे अधिकार संसदे कडल्यान वा तिच्या प्राधिकारा वरवीं वापरतले अशें घोशीत केल्लें आसत जाल्यार ते संबंदांत,

(क) संसदेन राज्य विधीमंडळाचो कायदे करपाचो अधिकार राष्ट्रपतीक प्रदान करप आनी अशे तरेन प्रदान केल्लो अधिकार, ज्यो अटी घालप राष्ट्रपतीक योग्य दिसत अश्या अटींचे अधीनतायेन, ताणें ते संबंदांत विनिर्दिश्ट करपाच्या हेर कसल्याय प्राधिकरणा कडेन प्रत्यायोजीत करपाक ताका प्राधिकृत करप;

(ख) संसदेन वा राष्ट्रपतीन वा उप-पोटकलम (क) खाला अशे कायदे करपाचो अधिकार जाचे ठांय विहीत केला अश्या हेर प्राधिकरणान संघराज्याक वा ताच्या अधिकाऱ्यांक वा प्राधिकरणांक अधिकार प्रदान करपी आनी तांकां कर्तव्यां नेमून दिवपी वा अधिकार प्रदान करपाक वा कर्तव्यां नेमून दिवपाक प्राधिकृत करपी कायदे करप;

(ग) लोकसभा सत्रासीन नासत तेन्ना राज्याच्या एकवटीत निधींतल्यान खर्च करपाक संसदे कडल्यान अशा खर्चाक मंजुरी मेळसर राष्ट्रपतीन प्राधिकार दिवप.

---

[1] संविधान (आठ्ठिसावो बदल) अधिनेम, 1975, कलम 6 (पूर्वलक्षी प्रभावान) वरवीं घालें आनी उपरांत संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 38 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं पोटकलम (5) हे सुवातेर घालें.

[2] संविधान (त्रेंसठावो बदल) अधिनेम, 1989, कलम 2 (6-1-1990 हे तारखे सावन लागू) वरवीं परंतूक काडलें उपरांत संविधान (चवसठावो बदल) अधिनेम, 1990, कलम 2 (16-4-1990 हे तारखे सावन लागू) वरवीं घालें.

[1][(2) संसदेन वा राष्ट्रपतीन वा पोटकलम (1)च्या उप-पोटकलम (क) खाला निर्देशिल्ल्या हेर प्राधिकरणान राज्य विधीमंडळाच्या अधिकाराचो वापर करून केल्लो जो कायदो करपाक संसद, राष्ट्रपती वा अशें हेर प्राधिकरण अनुच्छेद 356 खाला उद्घोशणा प्रसृत जावंक नाशिल्ली जाल्यार हरशीं सक्षम जावची नाशिल्ली असो कसलोय कायदो हो, ती उद्घोशणा चालू आसपाचें बंद जाल्या उपरांत, कसलेंय सक्षम विधीमंडळ वा हेर प्राधिकरण हाचे कडल्यान तातूंत बदल जायसर वा तो रद्द जायसर अंमलांत आसपाचें चालू उरतलें.

**358. अनुच्छेद 19च्या उपबंधांचें आणिबाणीच्या वेळार निलंबन.**—[2][(1) [3][भारताची वा ताच्या राज्यक्षेत्राच्या खंयच्याय भागाची सुरक्षीतताय झुजाक लागून वा परकी आगळिकेक लागून घाताक पडल्या अशें घोशीत करपी आणिबाणीची उद्घोशणा लागू आसा त्या काळांत], अनुच्छेद 19 खाला तातूंतले खंयचेच बाबीक लागून, भाग III हातूंत व्याख्या केल्लें अशें राज्य हें त्या भागांत आसपावीत आशिल्ले उपबंध नाशिल्ले जाल्यार हरशीं जो कायदो वा शासकी कारवाय करपाक सक्षम जावपाचो असो कसलोय कायदो वा अशी कसलीय शासकी कारवाय करपाच्या राज्याच्या अधिकाराचेर निर्बंध पडचो ना, पूण हे प्रमाणें केल्लो कसलोय कायदो ती उद्घोशणा लागू आसपाचें बंद जायना फुडें अक्षमतायेचे व्याप्ते मेरेन निश्परिणामक जातलें, मात तो कायदो हे प्रमाणें निश्परिणामक जावचे पयलीं केल्ल्यो वा करपाच्यो सोडिल्ल्यो बाबी हाका आडवाद आसतल्यो:

[4][ताका शर्त अशी कीं, [5][जेन्ना अशी आणिबाणीची उद्घोशणा] भारताच्या राज्यक्षेत्राच्या फकत खंयच्याय एका भागांत लागू आसतली तेन्ना, भारताच्या राज्यक्षेत्राच्या ज्या भागांत आणिबाणीची उद्घोशणा लागू आसतली थंयच्या वा ताचे संबंदांतल्या हालचालींक लागून भारताची वा ताच्या राज्यक्षेत्राच्या खंयच्याय भागांची सुरक्षीतताय घाताक पडल्या आसत जाल्यार तितले मर्यादे मेरेन, जातूंत वा जाच्या खंयच्याय भागांत, आणिबाणीची उद्घोशणा लागू नासत अशें खंयचेंय राज्य वा केंद्रशासीत प्रदेशा संबंदांत ना थंय ह्या अनुच्छेदा खाला असो कसलोय कायदो करूं येता वा अशी कसलीय शासकी कारवाय करूं येता.]

[6][(2) पोटकलम (1) हातूंतली खंयचीय बाब—

---

[1] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 51 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं हे सुवातेर घालें.

[2] संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 39 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 358 हो पोटकलम (1) असो फेरअंकीकृत केला.

[3] कित्तो- कलम 39 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "आणिबाणीची घोशणा चालंत आसतना" हे सुवातेर घालें.

[4] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 52 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं जोडलें.

[5] संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 39 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "जंय आणिबाणीची घोशणा" हे सुवातेर घालें.

[6] कित्तो- कलम 39 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

(क) ज्या खंयच्याय कायद्यांत, तो केलो त्या वेळार लागू आशिल्ले आणिबाणीचे उद्धोशणे संबंदींचो तो कायदो आसा अशा अर्थाचें कथन आसपावीत नासत त्या कायद्याक; वा

(ख) अशें कथन आसपावीत आशिल्ल्या कायद्या खाला न्हय जाल्यार हेर तरेन केल्ले शासकी कारवायेक लागू आसचें ना.]

**359. भाग III वरवीं प्रदान केल्ल्या अधिकारांच्या वापराचें आणिबाणी वेळार निलंबन.**—(1) आणिबाणीची उद्धोशणा लागू आसत ते संबंदांत राष्ट्रपतीच्यान आदेशा वरवीं, [1][भाग III (अनुच्छेद 20 आनी 21 सोडून) वरवीं प्रदान केल्ल्यां मदल्या अधिकारांचो] त्या आदेशांत जे उल्लेखिल्ले आसतीत अश्या अधिकारांच्या वापरा खातीर खंयच्याय न्यायालयाक विनंती-अर्ज करपाचो अधिकार आनी हे प्रमाणें उल्लेखिल्ल्या अधिकारांच्या वापरा खातीर खंयच्याय न्यायालयांत प्रलंबीत आशिल्ल्यो सगल्यो कार्यवाही, ती उद्धोशणा अंमलांत आसत त्या कालावधींत वा आदेशांत उल्लेख जायत अशा ताचे परस विशिश्ट कालावधींत निलंबीत उरतल्यो अशें घोशीत करूं येता.

[2][(1क) जेन्ना [भाग III (अनुच्छेद 20 आनी 21 सोडून) वरवीं प्रदान केल्ल्यां मदल्या अधिकारांचो] खंयच्याय अधिकाराचो उल्लेख करपी पोटकलम (1) वरवीं केल्लो आदेश लागू आसत तेन्ना, ते अधिकार प्रदान करपी त्या भागांतले खंयचेय बाबीक लागून, उक्त भागांत व्याख्या केल्लें अशें राज्य हे त्या भागांत आसपावीत आशिल्ले उपबंध नाशिल्ले जाल्यार हरशीं जो कायदो वा शासकी कारवाय करपाक सक्षम जावपाचें असो कसलोय कायदो वा अशी कसलीय शासकी कारवाय करपाच्या राज्याच्या अधिकाराचेर निर्बंध पडचो ना पूण हे प्रमाणें केल्लो कसलोय कायदो पुर्वोक्त आदेश लागू आसपाचें बंद जायना फुडें अक्षमतायेचे व्याप्ती मेरेन निश्परिणामक जातलो, मात तो कायदो हे प्रमाणें निश्परिणामक जावचे पयलीं केल्ल्यो वा करपाच्यो सोडिल्ल्यो बाबी हाका आडवाद आसतल्यो:]

[3][ताका शर्त अशी कीं, जेन्ना आणिबाणीची उद्धोशणा भारताच्या राज्यक्षेत्राच्या फकत खंयच्याय एका भागांत लागू आसतली तेन्ना, भारताच्या राज्यक्षेत्राच्या ज्या भागांत आणिबाणीची उद्धोशणा लागू आसत हांचे संबंदांतल्या वा त्या भागांतल्या हालचालींक लागून भारताची वा ताच्या राज्यक्षेत्राच्या खंयच्याय भागाची सुरक्षीततताय घाताक पडल्या आसत जाल्यार आनी तितलेच मर्यादे मेरेन, जातूंत वा जाच्या खंयच्याय भागांत आणिबाणीची उद्धोशणा लागू नासत अशें खंयचेंय राज्य वा संघराज्य क्षेत्र हांच्या संबंदांत वा थंय ह्या अनुच्छेदा खाला असो कसलोय कायदो करूंक मेळटलो आनी अशी कसलीय शासकी कारवाय करूं येता.]

---

[1] संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 40 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं “भाग III वरवीं प्रदान केल्ल्यां अधिकारांचो” ह्या उतरांचे सुवातेर घालें.

[2] संविधान (आठ्ठिसावो बदल) अधिनेम, 1975, कलम 7 (पूर्वलक्षी प्रभावान) वरवीं निविश्ट केलें.

[3] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 53 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं जोडलें.

[1][(1ख) पोटकलम (1क) हातूंतली खंयचीय बाब—

(क) ज्या खंयच्याय कायद्यांत, तो केलो त्या वेळार लागू आशिल्ले आणिबाणीचे उद्घोशणे संबंदींचो तो कायदो आसा अशा अर्थाचें कथन आसपावीत नासत त्या कायद्याक; वा

(ख) अशें कथन आसपावीत आशिल्ल्या कायद्या खाला न्हय जाल्यार हेर तरेन केल्ले कसलेय शासकी कारवायेक लागू आसचो ना.]

(2) पुर्वोक्त प्रमाणें केल्ल्या आदेशाची व्याप्ती भारताच्या पुराय राज्यक्षेत्रांत वा ताच्या खंयच्याय भागांत आसूं येता:

[2][ताका शर्त अशी कीं, जेन्ना आणिबाणीची उद्घोशणा भारताच्या राज्यक्षेत्राच्या फकत खंयच्याय एका भागांत लागू आसत तेन्ना, भारताच्या राज्यक्षेत्राच्या ज्या भागांत आणिबाणीची उद्घोशणा लागू आसत थंयच्या वा ते संबंदांतल्या हालचालींक लागून भारताची वा ताच्या राज्यक्षेत्राच्या खंयच्याय भागाची सुरक्षीतताय घाताक पडल्या अशी राष्ट्रपतीची खात्री जाल्ल्यान आदेशाचें विस्तारक्षेत्र वाडोवप गरजेचें आसा अशें ताका दिसले बगर भारताच्या राज्यक्षेत्राच्या हेर खंयच्याय भागाचेर अश्या कसल्याच आदेशाचो हे प्रमाणें विस्तार करचे नात.]

(3) पोटकलम (1) खाला केल्लो दर एक आदेश, तो केल्या उपरांत, जाता तितले बेगीन, संसदेच्या दर एका सभाघरा मुखार दवरतले.

[3]**359क.** [*पंजाब राज्याक हो भाग लागू*].—*संविधान (त्रेंसठावो बदल) अधिनेम,* 1989, *कलम* 3 (6-1-1990 *हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें.*

**360. अर्थीक आणिबाणी संबंदीं उपबंध.**—(1) जिका लागून भारताचें वा ताच्या राज्यक्षेत्राच्या खंयच्याय भागाची अर्थीक थिराय वा पत घाताक पडल्या अशी परिस्थिति उप्रासल्या अशी राष्ट्रपतीची खात्री जायत जाल्यार ताच्यान उद्घोशणे वरवीं तशा आशयाचें प्रकटन करूं येता.

[4][(2) पोटकलम (1) खाला प्रसृत केल्ली उद्घोशणा—

(क) ते उपरांतचे उद्घोशणे वरवीं फाटीं घेवं येता वा बदलूं येता;

(ख) संसदेच्या दर एका सभाघरा मुखार दवरतले;

---

[1] संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 40 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[2] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 53 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं जोडलें.

[3] संविधान (एकोणसाठावो बदल) अधिनेम, 1988, कलम 3 (30-3-1988 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें आनी त्या अधिनेमाचे सुरवाती सावन दोन वर्साचो काळ सोंपना फुडें चालंत उरप थांबलें, म्हणजे 30 मार्च, 1988च्या दिसा.

[4] संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 41 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं पोटकलम (2) हे सुवातेर घालें.

(ग) दोन म्हयने सोंपना फुडें लागू आसपाचें बंद जातलें, पूण तो कालावधी सोंपचे पयलीं संसदेच्या दोनूय सभाघरांच्या थारावां वरवीं तिका मान्यताय मेळिल्ली आसल्यार बाब वेगळी:

ताका शर्त अशी कीं, जर अशी कसलीय उद्घोशणा लोकसभा जेन्ना बरखास्त जाल्ली आसा अशा काळांत प्रसृत केली वा उप-पोटकलम (ग) हातूंत निर्दिश्ट केल्ल्या दोन म्हयन्यांच्या कालावधींत लोकसभेचें सभाघर बरखास्त जालें जाल्यार, आनी जर तो कालावधी सोंपचे पयलीं राज्यसभेन उद्घोशणेक मान्यताय दिवपी थाराव पास केला आसत, पूण लोकसभेन अशे उद्घोशणे संबंदीं कसलोय थाराव पास केल्लो नासत जाल्यार, लोकसभा तिचे पुनर्घटणे उपरांत पयलेच फावटी जे तारखेक भरतली ते तारखे सावन तीस दीस सोंपना फुडेंच ती उद्घोशणा लागू आसपाचें बंद जातलें, मात उक्त तीस दिसांचो कालावधी सोंपचे पयलीं ते लोकसभेनूय ते उद्घोशणेक मान्यताय दिवपी थाराव पास केल्लो आसल्यार बाब वेगळी.]

(3) पोटकलम (1) खाला उल्लेखिल्ली अशी कसलीय उद्घोशणा लागू आसत त्या कालावधींत खंयच्याय राज्याक अर्थीक औचित्याचे नेम पाळपा संबंदीं निर्देश दिवन त्या निर्देशांनी ते नेम विनिर्दिश्ट करप, आनी त्या प्रयोजना खातीर राष्ट्रपतीक गरजेचे आनी योग्य दिसतीत अशे हेर निर्देश दिवप हे संघराज्याच्या शासनाधिकाराचे व्याप्तेंत येतलें.

(4) ह्या संविधानांत कितेंय आसलें तरी—

(क) अशा कसल्याय निर्देशांत—

(i) खंयच्याय राज्याच्या कारभारा संबंदांत सेवा करपी सगल्या वा खंयच्याय पगारांत आनी भत्त्यांत उणाव करप गरजेचें अशें करपी तरतूद;

(ii) सगलीं धन विधेयकां, वा अनुच्छेद 207 हातूंतले उपबंध जांकां लागू आसात अशीं हेर विधेयकां राज्य विधीमंडळान पास केल्या उपरांत तीं राष्ट्रपतीच्या विचारा खातीर राखून दवरप हें गरजेचें करपो उपबंध आसपावीत आसूं येतात;

(ख) ह्या अनुच्छेदा खाला प्रसारीत केल्ली कसलीय उद्घोशणा लागू आसत त्या कालावधींत, राष्ट्रपतीन सर्वोच्च न्यायालयाच्या आनी उच्च न्यायालयांच्या न्यायाधिशां सयत, संघराज्याच्या कारभारा संबंदांत सेवेंत आशिल्ल्या सगल्या वा खंयच्याय वर्गांतल्या व्यक्तींच्या पगारांत आनी भत्त्यांत उणाव करपाचो निर्देश दिवप कायदेशीर आसतलें.

[1][(5) * * * * *]

---

[1] संविधान (आठ्ठिसावो बदल) अधिनेम, 1975, कलम 8 (पूर्वलक्षी प्रभावान) वरवीं निविश्ट केलें आनी संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 41 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें.

# भाग XIX
# प्रकीर्ण

**361. राष्ट्रपती, राज्यपाल आनी राजप्रमूख हांकां राखण.**—(1) राष्ट्रपती, वा राज्याचो राज्यपाल वा राजप्रमूख आपणाल्या पदाच्या अधिकारांच्या वापराच्या संबंदांत आनी कर्तव्यांच्या पालना खातीर वा ते अधिकार वापरतना वा तीं कर्तव्यां करतना ताणें केल्ले वा ताणें ताचे खातीर म्हूण केल्ले कसलेय कृती संबंदीं खंयच्याच न्यायालयाक जापसालदार आसचो ना:

ताका शर्त अशी कीं, अनुच्छेद 61 खाला आरोपांचो सोदतपास करपा खातीर संसदेच्या खंयच्याय सभाघरान नेमिल्लें वा पदनिर्देशीत केल्लें खंयचेंच न्यायालय, अधिकरण वा निकाय हाच्यान राष्ट्रपतीचे वागणुकेची चिकित्साय करूं येता:

ताका आनीक शर्त अशी कीं, ह्या पोटकलमांतले खंयचेच बाबीक लागून भारत सरकार वा राज्य सरकारा आड समुचीत कार्यवाही करपाचो खंयचेच व्यक्तीचो अधिकार निर्बंधीत जाता असो तिचो अर्थ लावचे नात.

(2) राष्ट्रपतीचे वा राज्याच्या राज्यपालाचे [1]*** आड ताच्या कार्यकाळांत खंयच्याच न्यायालयांत कसलेच तरेची फौजदारी कार्यवाही सुरू करचे नात वा चालू दवरचे नात.

(3) राष्ट्रपतीक वा राज्याच्या राज्यपालाक [1]*** अटक करपा खातीर वा बंदखणींत घालपा खातीर ताच्या कार्यकाळांत खंयच्याच न्यायालयांतल्यान कसलीच आदेशिका काडचे नात.

(4) राष्ट्रपतीन वा राज्याच्या राज्यपालान [1]*** स्वताच्या व्यक्तीगत नात्यान केल्ले वा त्या नात्यान म्हूण केल्ले खंयचेच कृती संबंदांत, मागीर ती राष्ट्रपती म्हूण वा राज्याचो राज्यपाल [1]*** म्हूण ताणें अधिकारपद ग्रहण करचे पयलींची आसूं वा मागीरची आसूं, जिचे भितर ताचे आड दाद मागल्या अशी कसलीय दिवाणी कार्यवाही ही, ते कार्यवाहीचें स्वरूप, तिचें वादकारण, ज्या पक्षां कडल्यान अशी कार्यवाही मांडपाची आसा ताचें नांव, वर्णन आनी राबित्याची सुवात आनी तो कसले तरेची दाद मागता तें निवेदन करपी लेखी कळोवणी (नोटीस), जशें आसत तशें, राष्ट्रपतीक वा त्या राज्यपालाक [1]*** सुपूर्द करीत सावन वा ताच्या कार्यालयाक धाडीत सावन लागींचे उपरांतचे दोन म्हयने सोंपसर ताच्या अधिकारकाळांत खंयच्याय न्यायालयांत सुरू करूंक मेळची ना.

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "वा राजप्रमूख" हीं उतरां काडलीं.

[1][**361क. संसद आनी राज्य विधीमंडळ हांच्या कामकाज वृत्तांचे उजवाडावणेक राखण.**—(1) संसदेचें खंयचेंय सभाघर वा खंयच्याय राज्याची विधानसभा वा जशें आसत तशें ताच्या विधीमंडळाचें खंयचेंय सभाघर हांच्या कसल्याय कामकाजाच्या सारा सयत यथातथ्य प्रतिवृत्त खबरांपत्रांनी उजवाडावपाच्या संबंदान खंयच्याच न्यायालयांत खंयचीच व्यक्ती कसलेच फौजदारी वा दिवाणी कार्यवाहीक पात्र जावची ना, मात अशी उजवाडावणी दुर्भावपुर्वक केल्या अशें शाबीत केलें जाल्यार बाब वेगळी:

ताका शर्त अशी कीं, संसदेचें खंयचेंय सभाघर वा खंयच्याय राज्याची विधानसभा वा जशें आसत तशें, ताच्या विधीमंडळाचें खंयचेंय सभाघर हांचे कसलेय गुप्त बसकेच्या कामकाजाचें कसलेंय प्रतिवृत्त उजवाडावपा संबंदीं ह्या उपकलमांतली खंयचीच बाब लागू जावची ना.

(2) पोटकलम (1)जे प्रमाणें खबरांपत्रांत उजवाडा आयिल्ल्या प्रतिवृत्तांच्या वा बाबींच्या संबंदांत लागू जाता तेच प्रमाणें तें ध्वनीक्षेपण केंद्राच्या पालवान सादर जावपी कार्यावळीचो वा सेवेचो भाग म्हूण बिनतारी संदेश यंत्रणे वरवीं ध्वनीक्षेपीत केल्ल्या प्रतिवृत्तांच्या वा बाबींच्या संबंदांत लागू जातलें.

*फोडणिशी.*—ह्या अनुच्छेदांत, "खबरांपत्र" हातूंत खबरांपत्रांनी उजवाडावपाचो मजकूर जातूंत आसपावीत आसा अशे कसलेय संस्थेन दिल्लें वृत्तनिवेदन आसपावीत आसा.]

[2][**361ख. पारिश्रमीक राजकी पदाचेर नेमणूक करपाक अपात्रताय.**—धावे अनुसुचीच्या परिच्छेद 2 खाला सभाघराचो वांगडी म्हूण अपात्र थारिल्ल्या खंयच्याय राजकी पक्षांतल्या सभाघराचो वांगडीय खंयच्याय पारिश्रमीक राजकी पदाचेर अपात्र थारतलो. ताच्या अपात्रपणाचे तारखे सावन सुरू जावपी काळ, असो वांगडी म्हूण ताच्या पदाची मुजत सोंपपी तारखे मेरेन वा तो सभाघरांत वेंचणूक लडोवपी आनी वेंचून आयिल्ले जाहीर केल्ले तारखे मेरेन, खंयचीय आदीं येत ती, कोंताक धरतले.

*फोडणिशी.*—ह्या अनुच्छेदाच्या उद्देशान,—

(क) "घर" हे अभिव्यक्तीचो अर्थ धावे अनुसुचीच्या परिच्छेद 1च्या पोटकलम (क)त ताका दिल्लो अर्थ आसा;

(ख) "पारश्रमीक राजकी पद" हे अभिव्यक्तीचो अर्थ खंयचेंय कार्यालय—

(i) भारत सरकार वा राज्य सरकाराच्या हाता खाला जंय अशा पदा खातीर पगार वा मोबदलो भारत सरकार वा राज्य सरकाराच्या भौशीक निधींतल्यान फारीक जाता, लागू जायत तशें; वा

---

[1] संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 42 (20-6-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 361क निविश्ट केलो.

[2] संविधान (एक्याण्णवावो बदल) अधिनेम, 2003, कलम 4 (1-1-2004 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 361ख निविश्ट केलो.

(ii) भारत सरकार वा राज्य सरकाराची पुराय वा अंशीक मालकी आशिल्ले संस्थे खाला, ती संस्थापक वा ना, आनी अशा पदा खातीर पगार वा पारिश्रमीक अशी संस्था दिता, असो पगार वा दिल्लो पारिश्रमीक भरपाय स्वरुपाचो आसल्यार सोडून.]

**362.** [*भारतीय संस्थानांच्या अधिपतींचे अधिकार आनी विशेशाधिकार.*].—*संविधान* (*सव्विसावो बदल*) *अधिनेम*, 1971 *कलम* 2 (28-12-1971 हे तारखे सावन लागू) *वरवीं काडलें.*

**363. विशिश्ट कबलाती, करार, आदी हातूंतल्यान उप्रासपी तंट्यांनी हस्तक्षेप करपाक न्यायालयांक आडखळ.**—(1) ह्या संविधानांत कितेंय आसलें तरी, अनुच्छेद 143च्या उपबंधांचे अधीनतायेन, जी कबलात, करार, प्रसंविदा, अभिसंकेत, सनद वा हेर तत्सम संलेख ह्या संविधानाच्या आरंभा पयलीं खंयच्याय भारतीय संस्थानाच्या अधिपतीन केल्लो वा निश्पादीत केल्लो आनी भारतीय अधिराज्याचें (डॉमिनियन ऑफ इण्डिया) सरकार वा ताच्या पुर्वाधिकाऱ्यांतले खंयचेंय सरकार जातूंत पक्ष आशिल्ले आनी अशा आरंभा उपरांत जो लागू उरला वा चालू दवरला ताचे खंयच्या उपबंधांतल्यान उप्रासपी खंयच्याय तंट्यांत वा असली कसलीय कबलात, करार, प्रसंविदा, अभिसंकेत, सनद वा हेर तत्सम संलेख हांचे कडेन संबंदीत अशा, ह्या संविधानांत आशिल्ल्यांतल्या खंयच्याय उपबंधा खाला प्रोदभूत जावपी कसलोय अधिकार वा तातूंतल्यान उप्रासपी कसलेय दायित्व वा आबंधन हांचे संबंदींच्या कसल्याय तंट्यांत सर्वोच्च न्यायालयाक वा हेर खंयच्याच न्यायालयाक अधिकारिताय आसची ना.

(2) ह्या अनुच्छेदांत—

(क) "भारतीय संस्थान" हाचो अर्थ, हिज मेजेस्टीस (ब्रिटीश राज्य) वा डॉमिनियन ऑफ इण्डियाच्या सरकारान ह्या संविधानाच्या आरंभा पयलीं अशें संस्थान म्हूण मान्यताय दिल्लें खंयचेंय राज्यक्षेत्र असो आसा; आनी

(ख) "अधिपती" हातूंत हीज मेजेस्टीस वा डॉमिनियन ऑफ इण्डियाच्या सरकारान अशा आरंभा पयलीं खंयच्याय भारतीय संस्थानाचो अधिपती म्हूण मान्यताय दिल्लो राजा, संस्थानीक वा हेर व्यक्ती हांचो आसपाव आसा.

[1][**363क. भारतीय संस्थानांच्या अधिपतींक दिल्ली मान्यताय संपुश्टांत येवप आनी खासगत तनखे काडून उडोवप.**—ह्या संविधानांत वा त्या-त्या काळांत तात्पुरतो अंमलांत आशिल्ल्या खंयच्याय कायद्यांत कितेंय आसलें तरी—

(क) संविधान (सव्विसावो बदल) अधिनेम, 1971 हाच्या आरंभा पयलीं खंयच्याय वेळार राष्ट्रपतीन भारतीय संस्थानाचो अधिपती म्हूण जाका मान्यताय दिल्ली असो राजा, संस्थानीक वा हेर व्यक्ती हांकां वा हिका अशा आरंभा पयलीं खंयच्याय वेळार राष्ट्रपतीन अशा अधिपतीचो उत्तराधिकारी म्हूण मान्यताय दिल्ली अशे कोणेय व्यक्तीक असो अधिपती वा अशा अधिपतीचो उत्तराधिकारी म्हूण मेळिल्ली मान्यताय अशे आरंभाचे तारखेक आनी तेन्नाच्यान संपुश्टांत येतली;

---

[1] संविधान (सव्विसावो बदल) अधिनेम, 1971, कलम 3 (28-12-1971 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 363क निविश्ट केलो.

(ख) संविधान (सव्विसावो बदल) अधिनेम, 1971 हाचे आरंभ तारखेक आनी तेन्नाच्यान *खासगत तनखे* ना केल्यात आनी खासगत तनख्यां संबंदांतले सगले अधिकार, दायित्व आनी आबंधनां ना केल्यांत आनी ते प्रमाणें पोटकलम (क) हातूंत निर्दिश्ट केल्लो अधिपती वा, जशें आसत तशें, अशा अधिपतीचो उत्तराधिकारी वा हेर कोणूय व्यक्ती हांकां *खासगत तनखो* म्हूण कसलीच रक्कम दिवचे नात.]

**364. व्हडलीं बंदरां आनी विमानतळ हांचे संबंदांत खाशेले उपबंध.**—(1) ह्या संविधानांत कितेंय आसलें तरी, राष्ट्रपतीच्यान जाहीर अधिसुचोवणे वरवीं अशें निर्देशीत करूं येता की, अधिसुचोवणेंत विनिर्दिश्ट करतले अशे तारखेक आनी तेन्ना सावन—

(क) संसदेन वा राज्य विधीमंडळान केल्लो कसलोय कायदो खंयचेंय व्हडलें बंदर वा विमानतळ हांकां लागू जावचो ना वा ते अधिसुचोवणेंत विनिर्दिश्ट करतले अशा आडवादां सयत वा आपरिवर्तनां सयत तांकां लागू जातलो; वा

(ख) खंयचोय विद्यमान कायदो हो खंयचेंय व्हडलें बंदर वा विमानतळ हांच्या संबंदांत, उक्त तारखे पयलीं केल्ल्यो वा करपाच्या सोडिल्ल्यो बाबी सोडून हरशीं, निश्परिणामक जायत, वा अशा बंदराक वा विमानतळाक लागू जातना, अधिसुचोवणेंत विनिर्दिश्ट करतले अशा आडवादां सयत वा आपरिवर्तनां सयत परिणामक जातलो.

(2) ह्या अनुच्छेदांत—

(क) "व्हडलें बंदर" हाचो अर्थ, संसदेन केल्ल्या खंयच्याय कायद्याच्या वा खंयच्याय अस्तित्वांत आशिल्ल्या कायद्या वरवीं वा ते खाला व्हडलें बंदर म्हूण घोशीत केल्लें बंदर असो आसा आनी त्या-त्या काळांत अश्या बंदरांच्या शिमांनी आसपावीत केल्ल्या सगल्या क्षेत्रांचो तातूंत आसपाव आसा;

(ख) "विमानतळ" हाचो अर्थ, हवाई मार्ग, विमान आनी हवाई दिक्चालन हे संबंदींच्या अधिनेमांच्या प्रयोजना खातीर व्याख्या केल्ले प्रमाणें विमानतळ असो आसा.

**365. संघराज्यान दिल्ल्या निर्देशांचें अनुपालन करपाक वा तांची अमंलबजावणी करपाक चुकपाचो परिणाम.**—ह्या संविधानांत आशिल्ल्या खंयच्याय उपबंधां खाला संघराज्याच्या शासनाधिकाराचो वापर करून दिल्ल्या खंयच्याय निर्देशांचें अनुपालन करपाक वा तांची अंमलबजावणी करपाक खंयचेंय राज्य चुकलें आसत ते संबंदांत, त्या राज्याचें सरकार ह्या संविधानाच्या उपबंधांक अनुसरून चलोवप जमना अशी परिस्थिती उप्रासल्या अशें राष्ट्रपतीन थारावप कायदेशीर जातलें.

**366. व्याख्या.**—ह्या संविधानांत, संदर्भाक लागून हेर तरेन गरजेचें नासत जाल्यार, फुडल्या उतरांक हाचे वरवीं थारावन दिल्यात ते प्रमाणें ते-ते अर्थ आसतले, ते म्हणल्यार—

(1) "कृषी प्राप्ती" हाचो अर्थ, भारतीय प्राप्तिकर विशयक अधिनेमांचे निर्मितीच्या प्रयोजना खातीर व्याख्या केल्ले प्रमाणें कृषी-प्राप्ती असो आसा;

(2) “आंग्ल भारतीय” हाचो अर्थ जे व्यक्तींच्या प्रजनकां मदलो बापूय वा ते पुरुश परंपरेंतलो हेर कोणूय मूळचो येवरोपी आसा वा आशिल्लो, पूण जी व्यक्ती भारताच्या राज्यक्षेत्रा भितर अधिवासी आसा आनी अश्या राज्यक्षेत्रांत फकत तत्कालीक प्रयोजना खातीर स्थायीक जाल्ली न्हय जाल्यार तातूंत कायम राबितो आशिल्ल्या आवयबापायच्या पोटांत जी जल्मल्या, वा जल्मल्ली अशी व्यक्ती, असो आसा;

(3) “अनुच्छेद” हाचो अर्थ, ह्या संविधानाचो अनुच्छेद असो आसा;

(4) “रीण घेवप” हातूंत वर्सासन दिवन दुडू उबारप हें आसपावीत आसा, आनी “रीण” हाचो अर्थ ते प्रमाणें लायतले;

[1][(4क) * * * *]

(5) “पोटकलम” हाचो अर्थ, ज्या अनुच्छेदाचें तें उतर येता ताचें पोटकलम असो आसा;

(6) “निगम कर” हाचो अर्थ, तो कर जितले मेरेन कम्पनीन दिवपाचो आसा तितले मेरेन प्राप्ती वयलो कसलोय कर असो आसा आनी ताचे संबंदीं फुडल्यो अटी पुराय जातात असो तो कर आसा:—

(क) तो शेतकी-प्राप्ती संबंदांत लावचे नात;

(ख) कम्पनीन भरपाच्या कराक लागू जातले अशा खंयच्याय अधिनेमा वरवीं त्या करा संबंदीं, कम्पनीन व्यक्तींक दिवपाच्या लाभांतल्यान कसलीय वजात करपाचो प्राधिकार दिल्लो ना;

(ग) अश्या लाभांश मेळपी व्यक्तींचे वट्ट प्राप्तीच्या भारतीय प्राप्ती कराच्या प्रयोजना खातीर गणना करतना वा अश्या व्यक्तींनी दिवपाच्या वा तांकां परतावो योग्य आशिल्ल्या भारतीय प्राप्ती कराची गणना करतना हे प्रमाणें भरिल्लो कर हिशबांत घेवपा खातीर कसलोच उपबंध अस्तित्वांत ना;

(7) “समनुरूप प्रांत”, “समनुरूप भारतीय संस्थान” वा “समनुरूप राज्य” हाचो अर्थ दुबावास्पद बाबींनी, विशिश्ट प्रस्तूत प्रयोजना खातीर, जशें आसत तशें, समनुरूप प्रांत, समनुरूप भारतीय संस्थान वा समनुरूप राज्य म्हूण राष्ट्रपती थारायतलो असो प्रांत, भारतीय संस्थान वा राज्य असो आसा;

---

[1] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 54 (1-2-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं पोटकलम (4क) निविश्ट केलें आनी उपरांत संविधान (त्रेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1977, कलम 11 (13-4-1978 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें.

(8) "देणें" हातूंत वर्षासनाच्या रुपान मुदल रकमांची परतफेड करपाच्या कसल्याच आबंधना संबंदींची कसलेच दायित्व वा कसलेच हमी खाला कसलेय दायित्व आसपाविल्ले आसा, आनी "देण्यांचे आकार" हाचो अर्थ ते प्रमाणें लायतले;

(9) "संपदा-शुल्क" हाचो अर्थ, त्या शुल्का संबंदीं संसदेन वा राज्य विधीमंडळान केल्ल्या कायद्यांच्या उपबंधां वरवीं मरणा उपरांत संक्रमीत जावपी वा अशे तरेन संक्रमीत जातात अशें मानतात ते संपदेचें उक्त कायद्या वरवीं वा तांचे खाला विहीत करतले अश्या नेमां प्रमाणें जें प्रधान मुल्य विनिश्चीत केल्लें आसत ताचेर वा ताच्या संदर्भांत निर्धारीत करपाचें शुल्क असो आसा;

(10) "विद्यमान आशिल्लो कायदो" हाचो अर्थ, खंयचोय कायदो, अध्यादेश, आदेश, पोटनेम, नेम वा विनेम करपाचो अधिकार आशिल्ल्या खंयच्याय विधीमंडळान, प्राधिकरणान वा व्यक्तीन ह्या संविधानाच्या आरंभा पयलीं पास केल्लो वा केल्लो असो कायदो अध्यादेश, आदेश, पोटनेम, नेम, वा विनेम असो आसा;

(11) "फॅडरल न्यायालय" हाचो अर्थ, गवर्नमॅण्ट ऑफ इण्डिया ऍक्ट, 1935 खाला घडीत जाल्लें फॅडरल न्यायालय असो आसा;

(12) "म्हाल" हातूंत सगली सामुग्री, विकपाचे जिनस आनी वस्तू आसपावीत आसात;

[1][(12क) "वस्तू आनी सेवा कर" हाचो अर्थ मनशाक पियेवंक सोऱ्याचे पुरवणे वयलो कर सोडून, वस्तू वा सेवांचे पुरवणे वयलो वा दोनांय वयलो खंयचोय कर];

(13) "हमी" हातूंत खंयच्याय उपक्रमाचो फायदो विनिर्दिश्ट रकमे परस उणो जायत जाल्यार दुडू भरपाचें ह्या संविधानाच्या आरंभा पयलीं पत्करिल्लें कसलेंय आबंधन आसपावीत आसा;

(14) "उच्च न्यायालय" हाचो अर्थ, ह्या संविधानाच्या प्रयोजना खातीर जें खंयच्याय राज्याचें उच्च न्यायालय अशें मानलां अशें खंयचेंय न्यायालय असो आसा, आनी तातूंत—

(क) ह्या संविधाना खाला घडीत वा पुनर्घडीत जाल्लें भारताच्या राज्यक्षेत्रांतलें खंयचेंय न्यायालय; आनी

(ख) संसदे कडल्यान कायद्या वरवीं ह्या संविधानाच्या सगल्या वा तातूंतल्या खंयच्याय प्रयोजना खातीर उच्च न्यायालय म्हूण घोशीत करतले अशें भारताच्या राज्यक्षेत्रांतलें हेर खंयचेंय न्यायालय आसपावीत आसा;

(15) "भारतीय संस्थान" हाचो अर्थ, डॉमिनियन ऑफ इण्डियाच्या सरकारान जाका अशें संस्थान म्हूण मान्यताय दिल्ली अशें खंयचेंय राज्यक्षेत्र असो आसा;

---

[1] संविधान (एकशें एकावो बदल) अधिनेम, 2016, कलम 14(i) (16-9-2016 हे तारखे सावन लागू ) वरवीं निविश्ट केलें.

(16) "भाग" हाचो अर्थ ह्या संविधानाचो भाग असो आसा;

(17) "पॅन्शन" हाचो अर्थ, कोणेय व्यक्तीक वा तिचे संबंदांत प्रदेय आशिल्ली कसलेय तरेची पॅन्शन - मागीर ती अंशदायी आसूं वा नासूं - असो आसा, आनी तातूंत अशे तरेन प्रदेय अशें निवृत्ती वेतन, अशे तरेन प्रदेय अशें उपदान आनी भविश्य निधींत पटी म्हूण दिल्ल्या रकमांचे परते खातीर अशे तरेन प्रदेय आशिल्ली रक्कम वा रकमो, तांचे वयलें कळंतर वा तातूंतली हेर कसलीय भर हाचे सयत वा ताचे बगर, असो आसपावीत आसा;

(18) "आणिबाणीची उद्घोशणा" हाचो अर्थ अनुच्छेद 352च्या पोटकलम (1) खाला प्रसारीत केल्ली उद्घोशणा असो आसा;

(19) "जाहीर अधिसुचोवणी" हाचो अर्थ, भारत राजपत्र वा, जशें आसत तशें खंयच्याय राज्याचें शासकी राजपत्र हातूंतली अधिसुचोवणी असो आसा;

(20) "रेल्वे" हातूंत—

(क) पुरायेन नगरपालिका क्षेत्रांत आशिल्लो ट्राममार्ग; वा

(ख) पुरायेन एका राज्यांत आशिल्लो आनी संसदेन कायद्या वरवीं रेल्वे न्हय असो घोशीत केल्लो हेर खंयचोय येरादार-मार्ग, हे आसपावीत नात;

[1][(21)* * * *]

[2][(22) "अधिपती" हाचो अर्थ, जाका राष्ट्रपतीन संविधान (सव्विसावो बदल) अधिनेम, 1971 हाच्या आरंभा पयलीं खंयच्याय वेळार भारतीय संस्थानाचो अधिपती म्हूण मान्यताय दिल्ली असो राजा, संस्थानीक वा हेर व्यक्ती वा जिका राष्ट्रपतीन अशा आरंभा पयलीं खंयच्याय वेळार अशा अधिपतीचो उत्तराधिकारी म्हूण मान्यताय दिल्ली अशी कोणूय व्यक्ती असो आसा;]

(23) "अनुसुची" म्हणल्यार ह्या संविधानाची अनुसुची अशें अभिप्रेत आसा;

(24) "अनुसुचीत जाती" हाचो अर्थ, ह्या संविधानाच्या प्रयोजना खातीर अनुच्छेद 341 खाला अनुसुचीत जाती आसात अशें मानलां अश्यो जाती, वंश, वा जमाती वा अश्या जातींचे, वंशांचे वा जमातींचे भाग वा तातूंतले गट असो आसा;

(25) "अनुसुचीत जमाती" हाचो अर्थ, ह्या संविधानाच्या प्रयोजना खातीर अनुच्छेद 342 खाला अनुसुचीत जमाती आसात अशें मानलां अश्यो जमाती वा अश्या जातींचे, वंशांचे वा जमातींचे भाग वा तातूंतले गट असो आसा;

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29, आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं पोटकलम (21) काडलें.

[2] संविधान (सव्विसावो बदल) अधिनेम, 1971, कलम 4 (28-12-1971 हे तारखे सावन लागू) वरवीं घालें.

(26) "रोखे" हातूंत पुंजरोखो आसपावीत आसा;

[1]* * *

[2][(26क) "सेवा" हाचो अर्थ वस्तू सोडून हेर कितेंय;

(26ख) अनुच्छेद 246क, 268, 269, 269क आनी 279क ह्या अनुच्छेदांच्या संदर्भांत "राज्य" हातूंत विधीमंडळ आशिल्लो केंद्रशासीत प्रदेश आसपावता];

[3][(26ग) "समाजीक आनी शिक्षणीक नदरेन मागास वर्ग" म्हणल्यार अशे मागास वर्ग जांकां केंद्र सरकार वा राज्य वा केंद्रशासीत प्रदेशाच्या प्रयोजना खातीर अनुच्छेद 342क खाला अधीन आसात अशें मानलां];

(27) "उप-पोटकलम" हाचो अर्थ, ज्या पोटकलमांत तो शब्दप्रयोग येता ताचें उप-पोटकलम असो आसा

(28) "कर-लावणी" हातूंत कसलेय कर वा प्रकर लावप - मागीर तो सरसकट आसूं, थळावो आसूं वा खाशेलो आसूं- आसपावीत आसा, आनी "कर" हाचो अर्थ ते प्रमाणें लायतले,

(29) "प्राप्ती वयलो कर" हातूंत अतिरिक्त फायदो कराच्या स्वरुपाचो कसलोय कर आसपावीत आसा

[4][(29क) "म्हालाची विक्री वा खरेदी हांचे वयलो कर" ह्या शब्दप्रयोगांत फुडल्या कराचोय आसपाव जाता—

(क) खंयचेय संविदेचे प्रमाणें आसत ते भायर हेर रितीन, कसल्याय म्हालाचे ठांय आशिल्ल्या स्वत्वाधिकाराचे रोखीन, आस्थगीत प्रदानाचेर वा हेर मुल्यवान प्रतिफला खातीर हस्तांतरण करपाचेर कर;

(ख) खंयचेय कार्यसंविदेची अंमलबजावणी करतना म्हालाचे ठांय आशिल्लो स्वत्वाधिकार (मागीर तो म्हालाच्या स्वरुपांत आसूं वा कसल्याय हेर स्वरुपांत आसूं) हस्तांतरीत जाता आसल्यार अशा हस्तांतरणा वयलो कर;

(ग) भाडें खरेदीन वा हस्या हस्यान प्रदान करपाचे हेर कसलेय पद्दतीन केल्ल्या म्हालाचे सुपुर्द वयलो कर;

(घ) कसल्याय म्हालाच्या कसल्याय प्रयोजना खातीर वापर करपाच्या हक्काचे रोखीन, आस्थगीत प्रदानाचेर वा हेर मोलादीक प्रतिफलार्थ हस्तांतरण करपा वयलो कर (मागीर तें हस्तांतरण खंयचेय विनिर्दिश्ट मुजती खातीर आसूं वा नासूं);

---

[1] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 54 (1-2-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं पोटकलम (26क) निविश्ट केलें आनी उपरांत संविधान (त्रेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1977, कलम 11 (13-4-1978 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें.

[2] संविधान (एकशें एकावो बदल) अधिनेम, 2016, कलम 14(ii) (16-9-2016 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[3] संविधान (एकशें दोनावो बदल) अधिनेम, 2018, कलम 5 (14-8-2018 हे तारखे सावन लागू) वरवीं पोटकलम (26ग) निविश्ट केलें आनी उपरांत संविधान (एकशें पांचावो बदल) अधिनेम, 2021, कलम 4 (15-9-2021 हे तारखे सावन लागू) वरवीं घालें.

[4] संविधान (शेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1982, कलम 4 (2-2-1983 हे तारखे सावन लागू) वरवीं पोटकलम (29क) निविश्ट केलें.

(ङ) खंयच्याय असमुदीत संघराज्यान वा व्यक्तींच्या निकायान आपणाल्या कोणाय वांगड्याक रोखीन, आस्थगीत प्रदानाचेर वा हेर मोलादीक प्रतिलाभार्थ केल्ल्या म्हालाचे पुरवणे वयलो कर;

(च) कसलोय खावपा जिनस म्हूण वा मानवी सेवना खातीर आशिल्ली कसलीय वस्त म्हूण वा कसलेंय पेय (मागीर तें मादक आसूं वा नासूं) म्हूण आशिल्ल्या म्हालाचे, कसलेय सेवेच्या रुपान वा अशे सेवेचो भाग म्हूण वा हेर कसलेय रितीन, केल्ले पुरवणे वयलो कर; मात, अशी पुरवण वा सेवा ही रोखीन, आस्थगीत प्रदानाचेर वा हेर मोलादीक, प्रतिफलार्थ केल्ली वा दिल्ली आसची,

आनी कसल्याय म्हालाचें अशे तरेन केल्लें हस्तांतरण, वा केल्ली सुपुर्दी वा पुरवण ही, अशें हस्तांतरण, सुपुर्दी वा पुरवण करपी व्यक्तीन केल्ली विक्री आसा आनी जे व्यक्ती कडेन अशें हस्तांतरण, सुपुर्दी वा पुरवण केल्ली आसत ते व्यक्तीन त्या म्हालाची केल्ली खरेदी आसा अशें मानतले;]

[1][(30) "केंद्रशासीत प्रदेश" हाचो अर्थ, पयले अनुसुचींत विनिर्दिश्ट केल्लें खंयचेंय केंद्रशासीत प्रदेश असो आसा आनी तातूंत, भारताच्या राज्यक्षेत्रांत आसपावीत आशिल्ल्या पूण ते अनुसुचींत विनिर्दिश्ट करूंक नाशिल्ल्या हेर खंयच्याय राज्यक्षेत्राचो आसपाव आसा.]

**367. अर्थावणी.**—(1) संदर्भाक लागून हेर तरेन गरजेचें नासल्यार, सर्वसादारण वाक्खंड अधिनेम, 1897 जसो डॉमिनयन ऑफ इण्डियाच्या विधीमंडळाच्या अधिनेमांचे अर्थावणेक लागू आसा तसो तो, अनुच्छेद 372 खाला तातूंत करतले अश्या कसल्याय अनुकुलनां सयत आनी आपरिवर्तनां सयत ह्या संविधानाचे अर्थावणे संबंदीं लागू आसतलो.

(2) संसदेचे अधिनेम वा तिणें केल्ले कायदे हे संबंदीं वा [2]*** राज्याच्या विधीमंडळाचे अधिनेम वा ताणें केल्ले कायदे हे संबंदीं ह्या संविधानांत आशिल्ल्या खंयच्याय निर्देशांनी राष्ट्रपतीन काडिल्लो अध्यादेश वा, जशें आसत तशें, राज्यपालान [3]*** काडिल्लो अध्यादेश हे संबंदींचो निर्देश आसपावीत आसात असो ताचो अर्थ लायतले.

(3) ह्या संविधानाच्या प्रयोजना खातीर "परकी राष्ट्र" हाचो अर्थ, भारत सोडून हेर खंयचेंय राष्ट्र असो आसा:

ताका शर्त अशी कीं, संसदेन केल्ल्या खंयच्याय कायद्याच्या उपबंधाचे अधीनतायेन, राष्ट्रपतीच्यान आदेशा[4] वरवीं खंयचेंय राज्य त्या आदेशांत विनिर्दिश्ट करतले अश्या प्रयोजना खातीर परकी राज्य न्हय अशें घोशीत करूं येता.

[5][(4) * * * *]

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं पोटकलम (30) हे सुवातेर घालें.

[2] कित्तो- कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पयले अनुसुचीच्या भाग (क) आनी भाग (ख) हातूंत विनिर्दिश्ट केल्लीं" हीं उतरां आनी अक्षरां काडलीं.

[3] कित्तो- कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "वा राजप्रमूख" हीं उतरां काडलीं.

[4] संविधान (विदेशी राज्यां विशीं घोशीत) आदेश, 1950 (C.O. 2) पळोवचें.

[5] संविधान (जम्मू आनी काश्मीर हांकां लागू) आदेश, 2019 (C.O. 272) (5-8-2019 हे तारखे सावन लागू) वरवीं जोडलें, ह्या C.O.च्या मजकुरा खातीर परिशिश्ट II पळयात.

# भाग XX
# संविधानांत बदल

**368.** [1][**संसदेचो संविधान बदलपाचो अधिकार आनी ते संबंदींची कार्यपद्दत**].—[2][(1) ह्या संविधानांत कितेंय आसलें तरी, संसदेच्या आपणाल्या संविधानीक अधिकारांचो वापर करून ह्या संविधानाचो खंयचोय उपबंध ह्या अनुच्छेदांत घालून दिल्ले कार्यपद्दती प्रमाणें, चड भर घालून, विभिन्नीकरण करून वा निरसन करून त्या रुपांत बदलून घेवं येता.]

[3][(2)] ह्या संविधानाच्या बदलांचो आरंभ संसदेच्या दोनां भितरल्या खंयच्याय सभाघरांत त्या प्रयोजना खातीर विधेयक प्रस्तूत करून करूं येता, आनी जेन्ना तें विधेयक दर एका सभाघरांत त्या सभाघराचे वट्ट वांगडी संख्येच्या भोवमतान आनी त्या सभाघराच्या हाजीर आशिल्ल्या आनी मतदान करपी वांगड्यां भितरल्या उण्याच त्या दोन-तृतियांश इतल्या वांगड्यांच्या भोवमतान पास जातलें तेन्ना, [4][तें राष्ट्रपती कडेन सादर करतले आनी तो त्या विधेयकाक आपणाली अनुमती दितलो आनी ते उपरांत] संविधान विधेयका प्रमाणें बदलून येतलें:

ताका शर्त अशी कीं, जर अशे बदल—

(क) अनुच्छेद 54, अनुच्छेद 55, अनुच्छेद 73, [5][अनुच्छेद 162, अनुच्छेद 241 वा अनुच्छेद 279क]; वा

(ख) Vव्या भागाचे IVथे प्रकरण, VIव्या भागाचे Vवे प्रकरण, वा XIव्या भागाचे Iले प्रकरण; वा

(ग) सातवे अनुसुचींतली खंयचीय वळेरी; वा

(घ) राज्यांचें संसदेंतलें प्रतिनिधित्व; वा

(ङ) ह्या अनुच्छेदाचो उपबंध,

---

[1] संविधान (चोविसावो बदल) अधिनेम, 1971, कलम 3 (5-11-1971 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "संविधानाच्या बदला खातीर पद्दत" हे सुवातेर घालें.

[2] कित्तो- कलम 3 (5-11-1971 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[3] कित्तो- कलम 3 (5-11-1971 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 368 हाका पोटकलम (2) कशें फेरअंकीकृत केलें.

[4] कित्तो- कलम 3 (5-11-1971 हे तारखे सावन लागू) वरवीं घालें.

[5] संविधान (एकशें एकावो बदल) अधिनेम, 2016, कलम 15 (16-9-2016 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "अनुच्छेद 162 वा अनुच्छेद 241" ह्या उतरांचे आनी आंकड्यांचे सुवातेर घालें.

हातूंत कसलोय बदल करूंक सोदता आसत जाल्यार, अश्या बदलांची तरतूद करपी विधेयक राष्ट्रपती मुखार अनुमती खातीर दवरचे पयलीं तो बदल [1]*** राज्यां मदल्या उण्याच त्या अर्द्या राज्यांच्या विधीमंडळांनी पास केल्ल्या तशाच आशयाच्या थारावां वरवीं त्या विधीमंडळां कडल्यान अनुसंमत जावपूय गरजेचें आसतलें.

[2][(3) अनुच्छेद 13तली खंयचीय बाब, ह्या अनुच्छेदा खाला केल्ल्या कसल्याय बदलाक लागू आसची ना.]

[3][(4) ह्या संविधानांत (भाग IIIच्या उपबंधा सयत) ह्या अनुच्छेदा खाला केल्लो वा केल्ल्याचो दावो केल्लो कसलोय बदल [मागीर तो संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 55 हाच्या आरंभा पयलीं वा मागीर केल्लो आसूं] खंयच्याच न्यायालयांत खंयच्याच कारणा वयल्यान प्रस्नास्पद करूंक मेळचो ना.

(5) दुबाव काडून उडोवपा खातीर हे वरवीं अशें घोशीत करतात की, ह्या संविधानाच्या उपबंधांचेर चड भर घालून, तातूंत विभिन्नीकरण करून वा ते निरसीत करून तातूंत बदल करपा संबंदीं ह्या अनुच्छेदा खाला संसदेक आशिल्ल्या संविधानीक अधिकाराचेर कसलेच तरेची मर्यादा आसची ना.]

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पयले अनुसुचीच्या भाग (क) आनी भाग (ख) हातूंत विनिर्दिश्ट केल्लीं" हीं उतरां आनी अक्षरां काडलीं.

[2] संविधान (चोविसावो बदल) अधिनेम, 1971, कलम 3 (5-11-1971 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[3] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 55 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें. हें कलम सर्वोच्च न्यायालयान *मिनर्वा मिल्स लि. आनी हेर आड भारतीय संघराज्य आनी हेर* AIR 1980 SC 1789 ह्या प्रकरणांत अग्राह्य थारायलां.

# भाग XXI

## [1][अस्थायी, संक्रमणी आनी विशेश उपबंध]

**369. राज्य वळेरेंतल्यो विशिश्ट बाबी जशे परीं समवर्ती वळेरेंतल्यो आसच्यो ते प्रमाणें ताचे संबंदीं कायदे करपाचो संसदेक अधिकार.**—ह्या संविधानांत कितेंय आसलें तरी, ह्या संविधानाच्या आरंभा सावन पांच वर्सांच्या कालावधींत संसदेक फुडल्यो बाबी जश्यो कितें समवर्ती वेळेरेंत नमूद केल्ल्योच आसात अशें धरून ते संबंदांत कायदे करपाचो अधिकार आसतलो, त्यो बाबी अश्यो:—

(क) सुती आनी लोकरेचें लुगट, कापूस (सरकी काडिल्लो आनी सरकी काडूंक नाशिल्लो कापूस वा कपास हांचे सयत) सरकी, कागद ( )लोखंड, तिखें आनी अभ्रक हांचो राज्यांतर्गत वेपार आनी वाणिज्य तशेंच तांचें उत्पादन, पुरवण आनी वितरण;

(ख) पोटकलम (क) हातूंत उल्लेखिल्ल्या मदले खंयचेय बाबी संबंदींच्या कायद्या आड घडपी गुन्यांव, तांचे भितरले बाबी संबंदीं सर्वोच्च न्यायालय सोडल्यार सगल्या न्यायालयांची अधिकारिताय आनी तांचे अधिकार आनी तांचे मदले खंयचेय बाबी संबंदींची फी पूण खंयच्याय न्यायालयांत घेतात ते फींचो तातूंत आसपाव ना,

पूण ह्या अनुच्छेदाचो उपबंध नाशिल्लो जाल्यार तो कायदो करपाक संसद सक्षम जावची नाशिल्ली असो संसदेन केल्लो कसलोय कायदो उक्त कालावधी सोंपना फुडें अक्षमतायेचे व्याप्ती मेरेन निश्परिणामक जातलो, मात तो सोंपचे पयलीं केल्ल्यो वा करपाच्यो सोडिल्ल्यो बाबी हाका आडवाद आसतल्यो.

[1] संविधान (तेरावो बदल) अधिनेम, 1962, कलम 2 (1-12-1963 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "तत्पुरते आनी संक्रमणी उपबंध" हे सुवातेर घालें.

**[1][370. जम्मू आनी काश्मीर राज्या संबंदीं अस्थायी उपबंध.—(1) ह्या संविधानांत कितेंय आसलें तरी,—

(क) अनुच्छेद 238ची तरतूद जम्मू आनी काश्मीर राज्याच्या संबंदांत लागू आसची ना;

(ख) उक्त राज्या खातीर कायदे करपाचो संसदेचो अधिकार फुडल्या बाबीं संबंदीं मर्यादीत आसतलो—

(i) खंयचेय संस्थेन भारतीय अधिराज्यांत (डॉमिनियम ऑफ इण्डियांत) सामील जावपा विशीं नेमन करपी सामील नाम्यांत जांचे संबंदीत डॉमिनियनाच्या विधीमंडळाच्या त्या संस्थां खातीर कायदे करूं येतात अश्यो बाबी म्हूण विनिर्दिश्ट केल्ल्या बाबीं कडेन ज्यो समनुरूप आसात अशें राष्ट्रपतीन शासनाचो विचार घेवन घोशीत केलां त्यो संघराज्य वळेरेंतल्यो आनी समवर्ती वळेरेंतल्यो बाबी; आनी

---

** भारताच्या संविधानाच्या अनुच्छेद 370चें पोटकलम (1) हाचे सयत वाचिल्ल्या अनुच्छेद 370च्या पोटकलम (3) हांणी दिल्ल्या अधिकारा सयत राष्ट्रपती, संसदेचे सुचोवणे वयल्यान, अशें घोशीत करता की 6 ऑगस्ट 2019 सावन अनुच्छेद 370चीं सगलीं पोटकलमां चलनांत आसचीं नात, सोडून सकयलीं जीं अशीं आसतलीं:—

"370. ह्या संविधानाचे सगले उपबंध, वेळावेळार बदल केल्यात, फेरबदलां वा आडवादां बगर, जम्मू आनी काश्मीर राज्याक लागू जातल्यो आनी अनुच्छेद 152 वा अनुच्छेद 308 हातूंत आशिल्ल्या किल्याकूच विरोधी अशें कोंताक धरिनासतना वा ह्या संविधानांत आनी खंयचोय अनुच्छेद वा जम्मू आनी काश्मीर हांच्या संविधानाच्या आनी कसल्याय उपबंधा वा भारताच्या प्रदेशांत कायद्याच्या फाटबळाचो वापर वा परंपरा, कसलोय कायदो, कागदपत्र, निवाडो, अध्यादेश, आदेश, पोटनेम, नेम, विनेम, अधिसुचोवणी वा अनुच्छेद 363 खाला विचारांत आसा असो खंयच्याय लिखीत, करार वा कबलात.".

(परिशिश्ट III पळयात) (C.O. 273).

[1] भारताच्या संविधानाचो पोटकलम (3) हांणी दिल्ल्या अधिकाराक धरून राष्ट्रपतीन जम्मू आनी काश्मीर राज्याचे संविधानसभेचे सुचोवणे वयल्यान 17 नोव्हेंबर, 1952च्या दिसा सावन वयर सांगिल्लो अनुच्छेद 370 चालीक लागतलो पूण तातूंत पोटकलम (1)तले *फोडणिशेक* लागून, सकयली *फोडणिशीचे* सुवातेर घाल्या, तीं अशीं:—

"*फोडणिशी.*—ह्या अनुच्छेदा खातीर, राज्याचें सरकार म्हणजे राज्याचे विधानसभेचे सुचोवणे वयल्यान राष्ट्रपतीन तत्पुरत्या काळा खातीर अधिकारार आशिल्ल्या राज्याच्या मंत्रीमंडळाच्या सल्ल्याचेर काय काळा खातीर मान्यताय दिल्ली व्यक्ती आनी तिका जम्मू आनी काश्मीराची *सदर-इ-रियासत अशी मान्यताय आसा.".

(C.O. 44, तारीख 15 नोव्हेंबर, 1952)

* आतां "राज्यपाल".

(ii) त्या राज्याच्या सरकाराचे सहमतीन राष्ट्रपती आदेशा वरवीं ज्यो विनिर्दिश्ट करतलो अश्यो उक्त वळेऱ्यातल्यो हेर बाबीं.

*फोडणिशी.*—ह्या अनुच्छेदाच्या प्रयोजना खातीर, राज्याचें सरकार हाचो अर्थ, राष्ट्रपती जम्मू आनी काश्मीरचो म्हाराजा म्हूण त्या-त्या काळांत मान्यताय दिल्ली, म्हाराजांचे तारीख 5 मार्च, 1948चे उद्घोशणे प्रमाणें त्या-त्या काळांत अधिकाराचेर आशिल्ल्या मंत्रीमंडळाच्या सल्ल्यान कार्य करपी व्यक्ती असो आसा;

(ग) अनुच्छेद (1) आनी ह्या अनुच्छेदाचो उपबंध त्या राज्याच्या संबंदांत लागू आसतलो;

(घ) ह्या संविधानाच्या हेर उपबंधा मदलो राष्ट्रपती *आदेशा वरवीं विनिर्दिश्ट करतलो अशी तरतूद, अशे विनिर्दिश्ट आडवाद आनी फेरबदल हांचे सयत त्या संघराज्याच्या संबंदांत लागू आसतले:

ताका शर्त अशी कीं, उप-पोटकलम (ख)च्या परिच्छेद (i) हातूंत विनिर्दिश्ट केल्ल्या अश्या संस्थानाच्या सामीलनाम्यांतल्या बाबीं कडेन संबंदीत आसत असो कसलोच आदेश राज्याच्या सरकाराचो विचार घेतल्या बगर काडचे नात:

ताका आनीक शर्त अशी कीं, निकटपूर्व परंतुकांत निर्दिश्ट केल्ल्यो सोडून हेर बाबीं कडेन संबंदीत आसत असो कसलोच आदेश त्या सरकाराची सहमती आसले बगर काडचे नात.

(2) जर पोटकलम (1)च्या उप-पोटकमल (ख)च्या परिच्छेद (ii) हातूंत वा त्या पोटकलमाच्या उप-पोटकमल (घ) हातूंतल्या दुसऱ्या परंतुकांत निर्दिश्ट केल्ली राज्याच्या सरकाराची सहमती त्या राज्याचें संविधान तयार करपा खातीर संविधानसभा आमंत्रीत करचे पयलीं दिल्ली आसत जाल्यार, अशे संविधान सभेंत ते सहमती संबंदीं निर्णय घेवचो हे खातीर ती तिचे मुखार दवरतले.

(3) ह्या अनुच्छेदांच्या पुर्वगामी उपबंधांनी कितेंय आसलें तरी राष्ट्रपतीच्या, तो विनिर्दिश्ट करतलो अशे तारखे सावन, हें अनुच्छेद लागू आसपाचें बंद जातलें वा तेन्ना सावन विनिर्दिश्ट अश्याच आडवादां सयत आनी आपरिवर्तनां सयत लागू जातलें अशें जाहीर अधिसुचोवणे वरवीं घोशीत करूं येता:

ताका शर्त अशी कीं, राष्ट्रपतीन अशी अधिसुचोवणी काडचे पयली [1][पोटकलम (2) हातूंत निर्दिश्ट केल्ल्या राज्याच्या विधीमंडळाची] शिफारस गरजेची आसतली.

---

* परिशिश्ट II पळोवची.

[1] C.O. 272, तारीख 5-8-2019, कलम 2 (5-8-2019 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पोटकलम (2) हातूंत उल्लेख केल्ली राज्याची संविधान सभा" हे सुवातेर घालें.

[1][**371.** [2]*** **महाराष्ट्र आनी गुजरात ह्या राज्यां संबंदांत खाशेलो उपबंध.**—[3][(1)* * * * *]

(2) ह्या संविधानांत कितेंय आसलें तरी, [4][महाराष्ट्र वा गुजरात राज्य] ह्या संबंदींत आदेश काडून ते वरवीं राष्ट्रपतीच्या फुडल्या बाबीं खातीर राज्यपालाचेर कसलीय खाशेली जापसालदारकी सोंपोवपाचो उपबंध करूं येता—

(क) विदर्भ, मराठवाडा, [5][आनी महाराष्ट्राचो उरिल्लो भाग वा, जशें आसत तशें] सौराष्ट्र, कच्छ आनी गुजराताचो उरिल्लो भाग हांचे खातीर वेगळीं वेगळीं विकास मंडळां स्थापन करून, तांचे भितरल्या दर एका मंडळाच्या कामकाजाचो अहवाल दर वर्सा राज्य विधानसभे मुखार दवरतले अशी तजवीज करप;

(ख) सबंद राज्याच्यो गरजो सगल्या तरांनी मतींत घेवन, उक्त क्षेत्रां वयल्यान विकास खर्चा खातीर दुडवांची समन्यायानुसार वांटणी करप; आनी

(ग) सबंद राज्याच्यो गरजो सगल्या तरांनी मतींत घेवन, उक्त क्षेत्रां संबंदीं तंत्रीक शिक्षण आनी वेवसायीक प्रशिक्षण हांचे खातीर पर्याप्त सोंपेपणां आनी राज्य सरकाराच्या नियंत्रणा खालच्या सेवांनी नोकरेची पर्याप्त संद मेळोवन दिवपी समन्याया प्रमाणें वेवस्था करप.]

[6][**371क. नागालॅण्ड राज्या संबंदीं खाशेलो उपबंध.**—(1) ह्या संविधानांत कितेंय आसलें तरी,—

(क) (i) नागांचे धर्मीक वा सामाजीक आचार—

(ii) नागांचो रुढीप्राप्त कायदो आनी प्रक्रिया;

(iii) नागांच्या रुढीप्राप्त कायद्या प्रमाणें निर्णय दिवप हें जातूंत आसपावीत आसा अशें दिवाणी आनी फौजदारी न्यायदान;

(iv) जमीन आनी तिचे भितरली साधनसंपत हांचें धनीपण आनी हस्तांतरण,

हे संबंदांत संसदेचो कसलोच अधिनेम नागालॅण्डाचे विधानसभेन थारावा वरवीं तशें निश्चीत केल्या बगर नागालॅण्ड राज्याक लागू जावचो ना;

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 22 (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 371 हे सुवातेर घालें.

[2] संविधान (बत्तिसावो बदल) अधिनेम, 1973, कलम 2 (1-7-1974 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "आंध्र प्रदेश" हीं उतरां काडलीं.

[3] कित्तो- कलम 2 (1-7-1974 हे तारखे सावन लागू) वरवीं पोटकलम (1) काडलें.

[4] बॉम्बे फेररचणूक अधिनेम, 1960 (1960चो 11वो), कलम 85 (1-5-1960 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "बॉम्बे राज्य" हें सुवातेर घालें.

[5] कित्तो- कलम 85 (1-5-1960 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "महाराष्ट्राचो उरिल्लो भाग" ह्या उतरांचे सुवातेर घालें.

[6] संविधान (तेरावो बदल) अधिनेम, 1962, कलम 2 (1-12-1963 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 371क निविश्ट केलो.

(ख) नागालॅण्ड राज्याचे निर्मणेच्या निकटपूर्व नागा हिल्स-ट्युएनसांग वाठारांत उप्रासपी अंतर्गत दंगे नागालॅण्डाच्या राज्यपालाच्या मतान जे मेरेन वा ते खंयच्याय भागांत चालू आसात तितलो काळ त्या राज्यांतली कायदो आनी सुवेवस्था हांचे विशीं ताचेर खाशेली जापसालदारकी आसतली आनी ते संबंदीं आपणालीं कार्यां निभायतना करपाचे कारवाये संबंदीं राज्यपाल मंत्रीमंडळाचो विचार घेतल्या उपरांत आपणाल्या वैयक्तीक निर्णयाधिकाराचो वापर करतलो:

ताका शर्त अशी कीं, जर कसलीय बाब जिचे संबंदांत ह्या उप-पोटकलमा खाला राज्यपाल आपणालो वैयक्तीक निर्णयाधिकार वापरून कार्य करप गरजेचें आसा अशी बाब आसा काय ना असो प्रस्न उप्रासलो जाल्यार, राज्यपालाचो आपणाले बुद्दी प्रमाणेंचो निर्णय निमाणो आसतलो आनी ताणें केल्ले कसलेच बाबीचें कायदेशीरपण हें ताणें आपणालो वैयक्तीक निर्णयाधिकार वापरून कार्य करूंक जाय आशिल्लें काय नाका आशिल्लें, ह्या कारणा वयल्यान प्रस्नास्पद करून मेळचें ना:

ताका आनीक शर्त अशी कीं, जर नागालॅण्ड राज्यांतली कायदो आनी सुवेवस्था हांचे संबंदीत राज्यपालाचेर खाशेली जापसालदारकी आसपाचें हाचे फुडें गरजेचें ना हे संबंदीं राष्ट्रपतीची, राज्यपाला कडल्यान अहवाल मेळिल्ल्यान वा हेर तरेन खात्री जाली जाल्यार, ताच्यान आदेशा वरवीं अशी जापसालदारकी आदेशांत विनिर्दिश्ट करूं येता अशे तारखे सावन संपुश्टांत येतली अशें निर्देशीत करूं येता;

(ग) अनुदानाचे कसलेय मागणे संबंदीं आपणाली शिफारस करतना, नागालॅण्डाचो राज्यपाल खंयचेय खाशेले सेवे खातीर वा प्रयोजना खातीर भारत सरकारान भारताच्या एकवटीत निधींतल्यान पुरवण केल्ल्या दुडवांचो आसपाव ते सेवे कडेन वा प्रयोजना कडेन संबंदीत आशिल्ल्या अनुदाना खातीरचे मागणेंत आसतलो आनी हेर कसलेच मागणेंत आसचो ना अशी खात्रीलायक तजवीज करतलो;

(घ) ट्युएनसांग जिल्ल्या खातीर पस्तीस वांगडी मेळून घडिल्लें एक प्रादेशीक मंडळ नागालॅण्डाचो राज्यपाल जाहीर अधिसुचोवणे वरवीं हे संबंदांत विनिर्दिश्ट करतलो अशे तारखेक आनी तेन्ना सावन संस्थापन करतलो आनी राज्यपाल आपणाले बुद्दी प्रमाणें फुडल्या बाबीं खातीर उपबंध करपी नेम करतलो—

(i) प्रादेशीक मंडळाची घडण आनी प्रादेशीक मंडळाचे वांगडी जाचे प्रमाणें वेंचतले तांची पद्दत:

ताका शर्त अशी कीं, ट्युएनसांग उप-आयुक्त हो प्रादेशीक मंडळाचो पदसिद्ध अध्यक्ष आसतलो आनी प्रादेशीक मंडळाचो उपाध्यक्ष ताच्या वांगड्यां वरवीं तांचे भितरल्यान वेंचून दितले;

(ii) प्रादेशीक मंडळाचे वांगडी म्हूण त्या पदाचेर वेंचून येवपा खातीर वा जावपा खातीर लागपी पात्रतायो:

(iii) प्रादेशीक मंडळाच्या वांगड्यांचो अधिकारकाळ आनी वांगड्यांक पगार आनी भत्ते प्रदेय आसल्यार ते;

(iv) प्रादेशीक मंडळाची कार्यपद्दत आनी ताच्या कामकाजाचें चालन;

(v) प्रादेशीक मंडळाच्या अधिकाऱ्यांची आनी कर्मचाऱ्यांची नेमणूक आनी तांच्यो सेवा अटी; आनी

(vi) प्रादेशीक मंडळ घडीत करपा खातीर आनी ताचें कार्य फावो ते तरेन चलोवपा खातीर जांचे संबंदीं नेम करप गरजेचें आसा अशी हेर कसलीय बाब.

(2) ह्या संविधानांत कितेंय आसलें तरी, नागालॅण्ड राज्याचे निर्मणेचे तारखे सावन धा वर्सांचे कालावधी मेरेन वा राज्यपाल हे संबंदीत प्रादेशीक मंडळाच्या कारणा वयल्यान जाहीर अधिसुचोवणे वरवीं विनिर्दिश्ट करतलो अश्या आनीक कालावधी मेरेन,—

(क) ट्युएनसांग जिल्ल्याचें प्रशासन राज्यपाला कडल्यान चलतलें;

(ख) सबंद नागालॅण्ड राज्याच्यो गरजो पूर्ण करपा खातीर भारत सरकारान नागालॅण्डाच्या सरकाराक विशिश्ट दुडू पावयला आसत ते संबंदांत राज्यपाल आपणाले बुद्दी प्रमाणें त्या दुडवांची ट्युएनसांग जिल्लो आनी उरिल्लें राज्य हांचे भितर समन्याया प्रमाणें वांटणी करपाची वेवस्था करतलो;

(ग) नागालॅण्ड विधीमंडळाचो खंयचोय अधिनेम, राज्यपालान प्रादेशीक मंडळाचे शिफारशी वयल्यान जाहीर अधिसुचोवणे वरवीं तशें निर्देशीत केल्या बगर ट्युएनसांग जिल्ल्याक लागू जावचो ना आनी अश्या खंयच्याय अधिनेमा संबंदीं असो निर्देश दितना, राज्यपाल तो अधिनेम ट्युएनसांग जिल्ल्याक वा ताच्या खंयच्याय भागांत लागू जातना प्रादेशीक मंडळाचे शिफारशी वयल्यान राज्यपाल विनिर्दिश्ट करीत अश्या आडवादां सयत वा फेरबदलां सयत परिणाम जातलो अशें ताच्यान निर्देशीत करूं येता:

ताका शर्त अशी कीं, ह्या उपबंधां खाला दिल्लो खंयचोय निर्देश, तांच्यान पूर्वलक्षी प्रभावान आसत अशे तरेन दिवं येता;

(घ) राज्यपालाच्यान ट्युएनसांग जिल्ल्यांत शांतताय उरची, ताची उदरगत जावची आनी तांचें शासन सुरळीत जावचें हे खातीर विनेम करूं येतात आनी हे प्रमाणें केल्ल्या खंयच्याय विनियमा वरवीं त्या जिल्ल्याक त्या-त्या वेळार जो लागू आसत अशा खंयच्याय संसदीय अधिनेमाचे वा हेर खंयच्याय कायद्याचें, गरज थंय पूर्वलक्षी प्रभावा सयत निरसन वा तातूंत बदल करूं येता;

(ङ)(i) नागालॅण्डाचे विधानसभेंत ट्युएनसांग जिल्ल्याचें प्रतिनिधित्व करपी वांगड्यां भितरल्या एका वांगड्याक मुख्यमंत्र्याच्या सल्ल्या वयल्यान ट्युएनसांग विशयक वेव्हार मंत्री म्हूण राज्यपाला कडल्यान नेमतले आनी मुख्यमंत्री आपणालो सल्लो दितना पुर्वोक्त[1] वांगड्यां मदल्या भोवसंख्यांकांचे शिफारशी प्रमाणें दितलो;

---

[1] संविधान (अडचणींचें निवारण) आदेश क्र. Xच्या परिच्छेद 2त (1-12-1963 हे तारखे सावन लागू) उपबंध आसा तो असो की, भारताच्या संविधानाचो अनुच्छेद 371क हाचो परिणाम आसतलो जसो कितें सकयलें परंतुक पोटकलम (2)च्या उप-पोटकलम (ङ)च्या परिच्छेद (i) जोडिल्लें, म्हणल्यार:—

"हातूंत उपबंध असो कीं, राज्यपालाच्यान, मुख्यमंत्र्याच्या सल्ल्या वयल्यान, ट्युएनसांग वेव्हारा खातीर मंत्री म्हूण कोणेय व्यक्तीक तशें काम करपाक नेमूं येता जे मेरेन त्यो व्यक्ती कायद्याक धरून नागालॅण्ड विधानसभेंतल्या ट्युएनसांग जिल्ल्यांतल्यो वांटून दिल्ल्यो बसका भरपाक वेंचून काडल्यात.".

(ii) ट्युएनसांग विशयक वेव्हार मंत्री ट्युएनसांग जिल्ल्या संबंदींच्या सगल्या बाबीं विशीं कार्यवाही करतलो आनी ते संबंदान तांच्यांनी राज्यपाला कडेन थेट संपर्क सादूं येता, आनी मुख्यमंत्र्याक ताचे संबंदीत माहिती दीत रावतलो;

(च) ह्या पोटकलमाच्या पुर्वगामी उपबंधांनी कितेंय आसलें तरी लेगीत, ट्युएनसांग जिल्ल्या संबंदींच्या सगल्या बाबींचेर राज्यपाल आपणाले विवेकबुद्दी प्रमाणें निमाणो निर्णय दितलो;

(छ) अनुच्छेद 54 आनी 55 तशेंच अनुच्छेद 80चें पोटकलम (4), हातूंत राज्याचे विधानसभेच्या वेंचून आयिल्ल्या वांगड्यां संबंदींच्या संदर्भ वा अशा दर एका वांगड्या संबंदींच्या ह्या अनुच्छेदा खाला स्थापन जाल्ल्या प्रादेशीक मंडळान वेंचून दिल्ल्या नागालॅण्ड विधानसभेच्या वांगड्या वा वांगड्यां संबंदींचे संदर्भ आसपावीत आसतले;

(ज) अनुच्छेद 170त—

(i) पोटकलम (1) नागालॅण्डाचे विधानसभा संबंदांत, तातूंत "साठ" हाचे सुवातेर जशे परीं "शेचाळीस" हें उतर आसा अशे तरेन परिणामक जातलें;

(ii) उक्त पोटकलमांत, त्या राज्यांतल्या क्षेत्रीय मतदारसंघांतल्यान जावपी प्रत्यक्ष वेंचणुके संबंदींच्या निर्देशांत ह्या पोटकलमा खाला स्थापन जाल्ल्या प्रादेशीक मंडळाच्या वांगड्यां वतीन जावपी वेंचणूक आसपावीत आसतली;

(iii) पोटकलम (2) आनी (3) हातूंत, क्षेत्रीय मतदारसंघां संबंदींच्या निर्देशांचो अर्थ, कोहिमा आनी मोकोकचुंग जिल्ल्यांच्या क्षेत्रीय मतदारसंघां संबंदींचो निर्देश असो आसतलो.

(3) जर ह्या अनुच्छेदांतल्या पुर्वगामी तरतुदीं मदली खंयचीय कार्यान्वीत करतना कसलीय अडचण उप्रासली जाल्यार राष्ट्रपतीच्यान ती अडचण पयस करपा खातीर स्वताक गरजेची दिसत अशी कसलीय बाब (हेर खंयच्याय अनुच्छेदाचें अनुकुलनां वा आपरिवर्तनां सयत) आपल्या आदेशा वरवीं करूं येता:

ताका शर्त अशी कीं, नागालॅण्ड राज्याचे निर्मणेचे तारखे सावन तीन वर्सां सोंपल्या उपरांत मागीर कसलोच आदेश दिवचे नात.

*फोडणिशी.*—कोहिमा, मोकोकचुंग आनी ट्युएनसांग जिल्ले हांकां नागालॅण्ड राज्य अधिनेम, 1962 हातूंत आसतले तेच अर्थ ह्या अनुच्छेदांत आसतले.]

[1][**371ख. आसाम राज्या संबंदीं खाशेलो उपबंध.**—ह्या संविधानांत कितेंय आसलें तरी, आसाम राज्या संबंदीं आदेश काडून ते वरवीं राष्ट्रपतीच्यान सवी अनुसुची परिच्छेद 20 हांचे

---

[1] संविधान (बाविसावो बदल) अधिनेम, 1969, कलम 4 (25-9-1969 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

वांगडा जोडिल्ल्या तकट्यांतलो [1][भाग I] हातूंत विनिर्दिश्ट केल्ल्या आदिवासी क्षेत्रांतल्यान वेंचून आयिल्ले त्या राज्याचे विधानसभेचे वांगडी आनी त्या आदेशांत विनिर्दिश्ट करतले ते संख्ये इतले ते विधानसभेचे हेर वांगडी मेळून जाल्ले, ते विधानसभेचे समितीची घडण आनी कार्यां हांचे खातीर आनी अशी समिति घडीत करपा खातीर आनी तिचें कार्य योग्य तरेन चलपा खातीर ते विधानसभेची कार्यपद्दतींत नेमान आपरिवर्तन करपा खातीर उपबंध करूं येता.]

[2][**371ग. मणिपूर राज्या खातीर खाशेलो उपबंध.**—(1) ह्या संविधानांत कितेंय आसलें तरी, मणिपूर राज्या संबंदीं आदेश काडून ते वरवीं राष्ट्रपतीच्यान, त्या राज्याच्या दोंगरी वाठारांतल्यान वेंचून आयिल्ल्या त्या राज्याचे विधानसभेचे वांगडी मेळून घडिल्ले ते विधानसभेचे समितीची घडण आनी कार्य हांचे खातीर शासकी कामकाजाच्या नेमांत आनी त्या राज्याचे विधानसभेच्या कार्यपद्दतींत नेमान आपरिवर्तन करपा खातीर आनी अशे समितीचें कार्य फावो ते तरेन चलोवपाचें निश्चीत करपा खातीर राज्यपालाचेर कसलीय खाशेली जापसालदारकी सोंपोवपा संबंदीं उपबंध करूं येता.

(2) राज्यपाल दर वर्सा, वा जेन्ना-जेन्ना राष्ट्रपती हे प्रमाणें गरजेचे करीत तेन्ना-तेन्ना, मणिपूर राज्यांतल्या दोंगरी वाठाराच्या प्रशासना संबंदीं राष्ट्रपतीक अहवाल दितलो आनी उक्त क्षेत्राच्या प्रशासना संबंदीं त्या राज्यांत निर्देश दिवचे हें संघराज्याच्या शासनाधिकाराचे व्याप्तेंत येतलें.

*फोडणिशी.*—ह्या अनुच्छेदांत, "दोंगरी वाठार" ह्या उतरांचो अर्थ राष्ट्रपती आदेशा वरवीं दोंगरी वाठार म्हूण घोशीत करतलो.]

[3][**371घ. [4][आंध्र प्रदेश राज्य वा तेलंगण राज्य] हांचे संबंदीं खाशेलो उपबंध].**—[5][(1) राष्ट्रपतीच्या आदेशा वरवीं, आंध्र प्रदेश राज्य वा तेलंगणा राज्या खातीर, दर एक राज्याच्यो गरजो सगल्या तरांनी मतींत घेवन, भौशीक रोजगाराच्या संबंदांत आनी शिक्षणाच्या संदर्भांत राज्याच्या वेगळ्या-वेगळ्या भागांतल्या लोकांक फावोश्यो संदी आनी सोंपेपणां मेळोवन दिवपा खातीर, त्या राज्यां संबंदीं आदेश काडून उपबंध करूं येता आनी राज्याच्या वेगळ्या-वेगळ्या भागां खातीर वेगळे-वेगळे उपबंध करूं येतात.]

---

[1] पुर्वोत्तर वाठार (फेररचणूक) अधिनेम, 1971(1971चो 81वो), कलम 71 ( 21-1-1972 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "भाग क" हे सुवातेर घालें.

[2] संविधान (सत्ताविसावो बदल) अधिनेम, 1971, कलम 5 (15-2-1972 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 371ग निविश्ट केलो.

[3] संविधान (बत्तिसावो बदल) अधिनेम, 1973, कलम 3 (1-7-1974 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 371घ आनी अनुच्छेद 371ङ निविश्ट केलों.

[4] आंध्र प्रदेश फेररचणूक अधिनेम, 2014, (2014चो 6वो) कलम 97 (2-6-2014 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "आंध्र प्रदेश राज्य" घालें.

[5] कित्तो- कलम 97 (2-6-2014 हे तारखे सावन लागू) वरवीं पोटकलम (1) हे सुवातेर घालें.

(2) पोटकलम (1) खाला केल्ल्या आदेशा वरवीं, चड करून,—

(क) राज्य सरकारान त्या राज्याचे नागरी सेवेंतल्या खंयच्याय पदवर्गाची राज्याच्या वेगळ्या-वेगळ्या भागां खातीर वेगळ्या-वेगळ्या थळाव्या संवर्गांनी रचणूक करप आनी अशीं पदां धारण करपी व्यक्ती हे प्रमाणें रचणूक केल्ल्या थळाव्या संवर्गाक आदेशांत विनिर्दिश्ट करतले अश्या तत्वां प्रमाणें आनी प्रक्रिये प्रमाणें वांटून दिवप हें गरजेचें करूं येता;

(ख)(i) त्या राज्य सरकाराचे अखत्यारे खाला खंयच्याय थळाव्या संवर्गांतल्या (मागीर तो ह्या अनुच्छेदां खालच्या आदेशा प्रमाणें रचिल्लो आसूं वा हेर तरेन घडीत केल्लो आसूं) पदांचेर थेट भरती करपाच्या प्रयोजना खातीर;

(ii) राज्यांत खंयच्याय थळाव्या प्रयोजना खातीरचे अखत्यारे खालच्या खंयच्याय संवर्गांत पदांचे थेट भरती करपाच्या प्रयोजना खातीर; आनी

(iii) राज्यांतल्या खंयच्याय विद्यापिठांत वा राज्य सरकाराच्या नियंत्रणा खाला आशिल्ले हेर खंयचेय शिक्षणीक संस्थेंत प्रवेश मेळपाच्या प्रयोजना खातीर,

राज्याचो खंयचोय भाग वा थळावे वाठार म्हूण मानतले तें विनिर्दिश्ट करूं येता;

(ग)(i) उप-पोटकलम (ख) हातूंत निर्देशिल्लो असो जो खंयचोय संवर्ग आदेशांत हे संबंदांत विनिर्दिश्ट करतले तातूंतल्या पदांचेर थेट भरती करतना;

(ii) उप-पोटकलम (ख) हातूंत निर्देशिल्लें अशें जें खंयचेंय विद्यापीठ वा हेर शिक्षणीक संस्था आदेशांत हे संबंदांत विनिर्दिश्ट करतले तातूंत प्रवेश दितना,

जांणी, त्या-त्या जशें आसत तशें, असो संवर्ग, विद्यापीठ वा हेर शिक्षणीक संस्था हांच्या संबंदांतल्या थळाव्या वाठारांत आदेशांत विनिर्दिश्ट केल्ल्या खंयच्याय कालावधी मेरेन राबितो केला आसत वा शिक्षण घेतलां आसत त्या उमेदवारांक वा तांचे खातीर खंयचे मर्यादे मेरेन, खंयचे रितीन आनी खंयच्या अटींचे अधीनतायेन अग्रक्रम दिवचो वा सुवातो राखून दवरच्यो तें विनिर्दिश्ट करूं येता.

(3) राष्ट्रपतीच्या आदेशा वरवीं, [1][आंध्र प्रदेश राज्य आनी तेलंगण राज्य खातीर] एक प्रशासकी लवाद घडीत करपा खातीर उपबंध करतलो जो लवाद सकयल दिल्ल्या बाबीं विशीं आदेशांत निर्दिश्ट करतले अशी [न्यायाधिकारक्षेत्र, अधिकार आनी प्राधिकरण खंयच्याय न्यायालयाक (सर्वोच्च न्यायालय सोडून हेर) वा खंयच्याय लवादाक वा हेर प्राधिकरणाक संविधान (बत्तिसावो बदल) अधिनेम, 1973, हाचे सुरवाती पयलीं वापरूंक मेळपा सारकी अशें खंयचेंय न्यायाधिकारक्षेत्र, अधिकार आनी प्राधिकरण धरून] वापरचे हाचे खातीर उपबंध करूं येता, त्यो बाबी म्हणल्यार:—

---

[1] आंध्र प्रदेश फेररचणूक अधिनेम, 2014 (2014चो 6वो), कलम 97 (2-6-2014 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "आंध्र प्रदेश राज्य" हे सुवातेर घालें.

(क) आदेशांत विनिर्दिश्ट करतले अश्यो, राज्याचे खंयचे नागरी सेवेंतल्या पदवर्गांत वा पदवर्गांनी, वा राज्याच्या अखत्यारे खालच्या तशा नागरी पदवर्गांत वा पदवर्गांनी वा राज्यांतल्या खंयच्याय थळाव्या प्राधिकरणाच्या नियंत्रणा खालच्या तश्या पदवर्गांत वा पदवर्गांनी नेमणूक, वांटप प्राप्त नेमणूक वा बडटी;

(ख) आदेशांत वर्णीत करतले, अश्यो, राज्याच्या खंयच्याय नागरी वर्गांतल्या पदवर्गांत वा पदवर्गांनी, वा राज्याचे अखत्यारे खालच्या तशा नागरी पदवर्गांत वा पदवर्गांनी वा राज्यांतल्या थळाव्या प्राधिकरणाच्या नियंत्रणा खालच्या तशा पदवर्गांत वा पदवर्गांनी नेमणूक केल्ल्या, नेमिल्ल्या, बडटी दिल्ल्या व्यक्तींची ज्येश्ठताय;

(ग) आदेशांत विनिर्दिश्ट करतले तश्या, राज्यांतल्या खंयच्याय नागरी सेवेंतल्या पदवर्गांत वा पदवर्गांनी, वा राज्याचे अखत्यारे खालच्या तशा नागरी पदवर्गांत, पदवर्गांनी वा राज्यांतल्या थळव्या प्राधिकरणाच्या नियंत्रणा खालच्या तशा पदवर्गांत वा पदवर्गांनी नेमणूक केल्ल्या, नेमून दिल्ल्या वा बडटी दिल्ल्या व्यक्तींच्यो हेर सेवा-अटी.

(4) पोटकलम (3) खाला जो आदेश करतले—

(क) ताचे वरवीं प्रशासकी अधिकरणांत राश्ट्रपती आदेशांत विनिर्दिश्ट करीत अशी जी खंयचीय बाब अधिकरणाचे न्यायाधिकारक्षेत्रांत येत तिचे संबंदींच्या कागाळींचें निवारण करपा विशींचीं अभिवेदनां स्विकारपा खातीर आनी तांचेर त्या अधिकरणाक योग्य दिसतीत अशे आदेश दिवपा खातीर प्राधिकृत करूं येता;

(ख) तातूंत प्रशासकी अधिकरणाचे अधिकार, प्राधिकार आनी कार्यपद्दत हांचे संबंदीं राश्ट्रपतीक गरजेचे दिसत अशे उपबंध (आपणाल्या अवमाना खातीर ख्यास्त करपाच्या प्रशासकी अधिकरणाच्या अधिकारा संबंदींचे उपबंध हांचे सयत) आसपावीत आसूं येतात;

(ग) ते वरवीं प्रशासकी अधिकरणाच्या न्यायाधिकार क्षेत्रांतल्या बाबींच्या संबंदांतले आनी अशा आदेशाचो आरंभ जावचें निकटपूर्व खंयचेंय न्यायालय (सर्वोच्च न्यायालया परस वेगळें) वा अधिकरण वा हेर प्राधिकरण हांचे मुखार प्रलंबीत आशिल्ले कार्यवाही भितरल्या आदेशांत विनिर्दिश्ट करतले अशा वर्गांतली कार्यवाही त्या प्रशासकी अधिकरणा कडेन वर्ग करपाचो उपबंध करूं येता;

(घ) तातूंत राश्ट्रपतीक गरजेचे दिसतीत अशे पुरक, अनुशंगीक आनी परिणामी उपबंध (फी संबंदींचे आनी मुजत, पुरावो हांचे संबंदींचे आनी त्या-त्या काळांत अंमलांत आशिल्लो कसलोय कायदो कसल्याय अडवादां वा आपरिवर्तनां सयत लागू करपा खातीर केल्ले उपबंध हांचे सयत) आसपावीत आसूं येतात.

*(5) प्रशासकी लवाद जेन्ना खंयचेंय प्रकरण निकालांत काडटना जो आदेश दिता तो राज्य सरकारान ताची पुश्टी केल्या उपरांत वा आदेश दिल्ले तारखे सावन तीन म्हयने सोंपतकूच, जें पयलीं येता ते प्रमाणें प्रभावी जातलो:

ताका शर्त अशी कीं, राज्य सरकाराच्यान, खाशेल्या आदेशा वरवीं आनी तातूंत स्पश्ट केल्ल्या कारणांक लागून प्रशासकी न्यायालयाच्या खंयच्याय आदेशाक प्रभावी जावचे पयलीं तातूंत बदल करूं येता वा तो रद्द करूंक येता. अश्या प्रकरणांनी, अशे स्थितींत प्रशासकी लवादाचो आदेश फकत बदल केल्ल्या पुरतोच प्रभावी जावं येता वा कसलोच परिणाम जावचो ना.

(6) पोटकलम (5)च्या परंतुकां वरवीं राज्य सरकारान केल्लो दर एक खाशेलो आदेश, तो केल्या उपरांत, जाता तितले बेगीन, राज्य विधीमंडळाच्या दोनूय सभाघरां मुखार दवरतले.

(7) राज्याच्या उच्च न्यायालयाक प्रशासकी अधिकरणाचेर देखरेख करपा खातीर कसलेच अधिकार आसचे नात आनी खंयचेंच न्यायालय (सर्वोच्च न्यायालय सोडून) वा अधिकरण प्रशासकी अधिकरणाचे न्यायाधिकारक्षेत्राचे, अधिकाराचे वा प्राधिकाराचे अधीन आशिल्ले वा ताचे संबंदींचे कसलेच बाबीं संबंदांत कसलेंच न्यायाधिकारक्षेत्र, अधिकार वा प्राधिकार वापरचे नात.

(8) प्रशासकी अधिकरणाचें अस्तित्व चालू दवरपाची गरज वा राष्ट्रपतीची तशी खात्री जायत जाल्यार, राष्ट्रपतीच्यान आदेशा वरवीं प्रशासकी अधिकरण बरखास्त करूं येता आनी अश्या बरखास्तीच्या निकटपूर्व अधिकारणा मुखार प्रलंबीत आशिल्लीं प्रकरणां वर्ग करप वा निकालांत काडप हांचे खातीर फावोशे दिसतीत अशे उपबंध अशा आदेशांत करूं येतात.

(9) खंयच्याय न्यायालयाचो, अधिकरणाचो वा हेर प्राधिकरणाचो न्यायनिर्णय, हुकूमनामो वा आदेश कितेंय आसलो तरी,—

(क)(i) 1 नोव्हेंबर, 1956चे पयलीं जशें विद्यमान, तश्या हैदराबाद राज्याच्या सरकाराच्या वा तातूंतल्या खंयच्याय थळाव्या प्राधिकरणाचे अखत्यारे खालच्या कसल्याय पदाचेर ते तारखे पयलीं केल्ली; वा

(ii) आंध्र प्रदेश सरकाराच्या वा तातूंतल्या खंयच्याय थळाव्या वा हेर प्राधिकरणाचे अखत्यारे खालच्या कसल्याय पदाचेर संविधान (बत्तिसावो बदल) अधिनेम, 1973 हाच्या आरंभा पयलीं केल्ली खंयचेय व्यक्तीची नेमणूक, पदस्थापन, बडटी वा बदली; आनी

(ख) उप-पोटकलम (क) हातूंत निर्दिश्ट केल्ले खंयचेय व्यक्तीन वा तिचे मुखार आशिल्ली कसलीय कारवाय वा बाब,

---

* *पी. सांबमुर्ती आनी हेर आड आंध्र प्रदेश राज्य आनी हेर* (1987) 1 S.C.C. 362, ह्या प्रकरणांत सर्वोच्च न्यायायलान अनुच्छेद 371घ चें पोटकलम (5) परंतुका सयत असंविधानीक आनी रद्दबातल घोशीत केलें.

ही फकत अशे व्यक्तींची नेमणूक, पदस्थापन बडटी वा बदली अशे नियुक्तीच्या, पदस्थापनाच्या, बडटेच्या वा बदलेच्या संबंदांत हैदराबाद राज्यांत वा त्या-त्या जशें आसत तशें, आंध्र प्रदेश राज्याच्या खंयच्याय भागांत राबितो आसपा संबंदांत कसलीय गरज उपबंधीत करपी त्या काळांत अंमलांत आशिल्ल्या कसल्याय कायद्यांत करूंक नाशिल्ली इतल्याच कारणा वयल्यान बेकायदेशीर वा शून्य आसा वा केन्ना तरी बेकायदेशीर वा शून्य आशिल्ली अशें मानचे नात.

(10) ह्या अनुच्छेदाचे वा राष्ट्रपतीन ते वरवीं केल्ल्या खंयच्याय आदेशाचे उपबंध ह्या संविधानाच्या हेर खंयच्याय उपबंधांत वा त्या-त्या काळांत अंमलांत आशिल्ल्या हेर खंयच्याय कायद्यांत कितेंय आसलें तरी परिणामक जातलें.

**371ङ. आंध्र प्रदेशांत केंद्रीय विद्यापिठाची स्थापना.**—संसदेच्यान आंध्र प्रदेश राज्यांत विद्यापीठ स्थापन करपा खातीर कायद्या वरवीं उपबंध करूं येता.]

[1][**371च. सिक्कीम राज्या संबंदीं खाशेले उपबंध.**—ह्या संविधानांत कितेंय आसलें तरी,—

(क) सिक्कीम राज्याची विधानसभा तिसां परस उणे नात, इतले वांगडी मेळून घडिल्ली आसतली;

(ख) संविधान (छत्तिसावो बदल) अधिनेम, 1975 हाचे आरंभ तारखेक सावन (ह्या अनुच्छेदांत हे फुडें नियत तारीख म्हूण विनिर्दिश्ट),—

(i) एप्रील, 1974त सिक्कीमांत वेंचणुको जावन उक्त वेंचणुकांनी वेंचून आयिल्ले, बत्तीस वांगडी (हातूंत हे फुडें वर्तमान वांगडी म्हूण निर्दिश्ट) आशिल्ली सिक्कीमाची विधानसभा ही, ह्या संविधाना खाला रीतसर घडीत केल्ली सिक्कीम राज्याची विधानसभा आसा अशें मानतले;

(ii) विद्यमान वांगडी हे, सिक्कीम राज्याचे विधानसभेचे ह्या संविधाना खाला रीतसर वेंचून आयिल्ले वांगडी आसात अशें मानतले; आनी

(iii) सिक्कीम राज्याची उक्त विधानसभा, ह्या संविधाना खाला खंयच्याय राज्याचे विधानसभेक आशिल्ले अधिकार वापरतली आनी तिचीं कार्यां करतली;

---

[1] संविधान (छत्तिसावो बदल) अधिनेम 1975, कलम 3 (26-4-1975 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 371च निविश्ट केलो.

(ग) पोटकलम (ख) खाला सिक्कीम राज्याची विधानसभा म्हूण मानतले अशे विधानसभेच्या संबंदांत, अनुच्छेद 172 पोटकलम (1) हातूंतल्या [1][पांच वर्सांच्या] कालावधी संबंदींच्या निर्देशांचो अर्थ, [2][चार वर्सांच्या] कालावधी संबंदांचो निर्देश असो लायतले आनी उक्त [2][चार वर्सांचो] कालावधी नियत तारखे सावन सुरू जाता अशें मानतले;

(घ) संसदे कडल्यान कायद्या वरवीं हेर उपबंध करून जायसर, सिक्कीम राज्याच्या वांट्याक लोकसभेंत एक सुवात दितले आनी सिक्कीम राज्य हो सिक्कीमाचो संसदीय मतदारसंघ जातलो;

(ङ) नियत तारखेक विद्यमान आशिल्ले लोकसभेंतलो सिक्कीमाचो प्रतिनिधी हो, सिक्कीम राज्याचे विधानसभेंतल्या वांगड्यांनी वेंचून दिल्लो आसतलो;

(च) सिक्कीमांतल्या वेगळ्या-वेगळ्या लोकवर्गांच्या अधिकाऱ्यांची आनी हितसंबंदांची राखण करपा खातीर, संसदेच्यान सिक्कीम राज्याचे विधानसभेंत अश्या वर्गांच्या उमेदवारां कडल्यान कितल्यो सुवातो भरूं येतात ती संख्या आनी सिक्कीम राज्याचे विधानसभेचे वेंचणुके खातीर फकत ज्या विधानसभा मतदारसंघांतल्यान अश्या वर्गांच्या उमेदवारांक वेंचणुके खातीर, उबे रावूं येतात, तांचें परिसीमन हांचे संबदांत उपबंध करूं येता;

(छ) सिक्कीमाच्या राज्यपालाचेर शांतताय राखपा संबंदांत आनी सिक्कीमाच्या वेगळ्या-वेगळ्या लोकवर्गांची सामाजीक आनी अर्थीक उदरगत सुनिश्चीत करपा खातीर समन्याया प्रमाणें वेवस्था करपा संबंदांत खाशेली जापसालकी आसतली आनी ह्या उपबंधा खालची आपणाली खाशेली जापसालदारकी निभायतना सिक्कीमाचो राज्यपाल, राष्ट्रपतीक योग्य दिसत ते प्रमाणें त्या-त्या वेळार जो निर्देश दितलो तांचे अधीनतायेन, आपणाले बुद्दी प्रमाणें कार्य करतलो;

(ज) नियत तारखेचे निकटपूर्व सिक्कीम सरकाराच्या प्रयोजनां निमतान सिक्कीम सरकाराच्या वा हेर खंयच्याय प्राधिकरणाच्या वा खंयचेय व्यक्तीचे ठांय निहीत आसत अशी (सिक्कीम राज्यांत आसपावीत आशिल्ल्या राज्यक्षेत्राचे भितरली वा भायली) सगली संपत्ती आनी मालमत्ता नियत तारखेक आनी तेन्ना सावन सिक्कीम राज्याच्या सरकाराचे ठांय निहीत जातली;

---

[1] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 56 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पाच वर्सां" हे सुवातेर घालें आनी उपरांत संविधान (चवेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1978, कलम 43 (6-9-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "स वर्सां" हे सुवातेर घालें.

[2] कित्तो- कलम 56 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "चार वर्सां" हे सुवातेर घालें आनी उपरांत कित्तो- कलम 43 (6-9-1979 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुक्रमान "पांच वर्सां" हे सुवातेर घालें.

(झ) सिक्कीम राज्यांत आसपावीत आशिल्ल्या राज्यक्षेत्रांत नियत तारखेचे निकटपूर्व जें उच्च न्यायालय त्या नात्यान काम करता आसत ते नियत तारखेक आनी तेन्नाच्यान सिक्कीम राज्याचें उच्च न्यायालय अशें मानतले;

(ञ) सिक्कीम राज्याच्या सबंद राज्यक्षेत्रांतलीं सगलीं दिवाणी, फौजदारी आनी म्हासुली न्यायाधिकार क्षेत्रांतलीं न्यायालयां, न्यायीक कार्यकारी आनी प्रशासकी अशीं सगलीं प्राधिकरणां आनी अशे सगले अधिकारी नियत तारखेक आनी तेन्ना सावन ह्या संविधानाच्या उपबंधांचे अधीनतायेन आपआपले कार्याधिकार बजावपाचें चालू दवरतले;

(ट) सिक्कीम राज्यांत आसपावीत आशिल्ल्या राज्यक्षेत्रांनी वा तांच्या खंयच्याय भागांत नियत तारखेचे निकटपूर्व अंमलांत आशिल्ले सगले कायदे सक्षम विधीमंडळा कडल्यान वा हेर सक्षम प्राधिकरणा कडल्यान बदल वा निरसन जाय मेरेन थंय अंमलांत आसपाचें चालूच उरतलें;

(ठ) पोटकलम (ट) हातूंत निर्दिश्ट केल्लो असो कसलोय कायदो सिक्कीम राज्याच्या प्रशासनाच्या संबंदांत लागू करप सोंपें जावचें हे खातीर आनी अश्या खंयच्याय कायद्याचे उपबंध ह्या संविधानाच्या उपबंधां कडेन सुसंवादी करपा खातीर राष्ट्रपतीच्यान नियत तारखे सावन दोन वर्सां भितर आदेशा वरवीं, अशा कायद्यांत गरजेचें वा समयोचीत आसतीत अशीं अनुकुलनां आनी फेरबदल करूं येतात, मागीर तीं निरसनाच्या रुपांत आसूं वा बदलांच्या रुपांत आसूं, आनी ते उपरांत असो दर एक कायदो हे प्रमाणें केल्ल्या अनुकुलनां सयत आनी फेरबदलां सयत परिणामक जातलो, आनी अशें कसलेंय अनुकुलन वा फेरबदल खंयच्याच न्यायालयांत प्रस्नास्पद करूंक मेळचो ना;

(ड) जो नियत तारखे पयलीं केला वा निश्पादीत केला आनी भारत सरकार वा ताच्या पुर्वाधिकाऱ्यां मदलें खंयचेंय सरकार हातूंत पक्ष आशिल्लें अशी सिक्कीमा संबंदींची कसलीय कबलात, करारनामो, अभिसंकेत वा हेर तत्सम संलेख हातूंतल्यान उप्रासपी कसलोय तंटो वा हेर बाब, हांचे संबंदीं सर्वोच्च न्यायालयाक वा हेर खंयच्याय न्यायालयाक न्यायाधिकारक्षेत्र आसचें ना; पूण ह्या पोटकलमांतली खंयचीच बाब अनुच्छेद 143च्या उपबंधांक उणेपण हाडटा असो तिचो अर्थ लावचे नात;

(ढ) राष्ट्रपतीच्यान, जाहीर अधिसुचोवणे वरवीं, अधिसुचोवणेचे तारखेक भारतांतल्या खंयच्याय राज्यांत अंमलांत आशिल्ली अशें कसलेंय अधिनेमन सिक्कीम राज्याचेर ताका योग्य दिसतीत अशे निर्बंध वा आपरिवर्तन हांचे सयत विस्तारीत करूं येतात;

(ण) ह्या अनुच्छेदाच्या खंयच्याय तजविजांक प्रभावी करूंक आडखळ येता जाल्यार, राष्ट्रपतीच्यान, *आदेश काडून (दुसरो खंयचोय अनुच्छेद बदलप वा नवो आपणावप) ही आडखळ पयस करूंक, जीं गरजेचीं पावलां उखलपाक जाय तीं उबारूं येतात:

* संविधान (अडचणींचें निवारण) आदेश क्र. XI (C.O. 99) पळोवचें.

ताका शर्त अशी कीं, नियत तारखे सावन दोन वर्सां सोंपतकूच असो कसलोच आदेश दिवचे नात;

(त) सिक्कीम राज्य आनी तातूंत आसपावीत आशिल्लीं राज्यक्षेत्रां हातूंत वा तांच्या संबंदांत नियत तारखे सावन सुरू जावपी आनी संविधान (छत्तिसावो बदल) अधिनेम, 1975 हाका राष्ट्रपतीची अनुमती मेळपाचे तारखे सावनचे निकटपूर्व सोंपपी कालावधींत केल्ल्यो सगल्यो बाबी आनी सगली कार्यवाही, संविधान (छत्तिसावो बदल) अधिनेम, 1975 हाचे वरवीं बदल केल्ल्या अशा ह्या संविधानाच्या उपबंधां कडेन अनुरूप आसतीत तितले मेरेन, त्यो हे प्रमाणें बदलिल्ल्या ह्या संविधाना खाला कायदेशीरपणान केल्ल्यो आसात अशें सगल्या प्रयोजनां खातीर मानतले.]

[1][**371छ. मिझोराम राज्याक धरून आशिल्लो खाशेलो उपबंध.**— ह्या संविधानांत कितेंय आसलें तरी,—

(क) संसदेचो कसलोच कायदो हांचे बाबतींत—

(i) मिझोंचे धर्मीक वा समाजीक रितीरिवाज;

(ii) मिझो रितीरिवाज कायदो आनी प्रक्रिया;

(iii) मिझो रितीरिवाज कायद्याक धरून घेतिल्ल्या निर्णया प्रमाणें नागरी आनी गुन्यांवकारी न्यायाचें प्रशासन;

(iv) जमनीचें धनीपण आनी हस्तांतरण;

हें मिझोराम राज्याक लागू जातलें सोडून जेन्ना मिझोराम राज्याची विधानसभा एक थाराव घेवन दुसरे तरेन थारायतली:

ताका शर्त अशी कीं, ह्या पोटकलमांतली खंयचीच बाब, संविधान (त्रेपन्नासावो बदल) अधिनेम, 1986 सुरू जावचे आदीं मिझोराम केंद्रशासीत प्रदेशांत लागू आशिल्ल्या खंयच्याय केंद्रीय अधिनेमाक लागू जावची ना;

(ख) मिझोराम राज्याचे विधानसभेंत चाळीस वांगड्यां परस उणे वांगडी आसचे नात.]

[2][**371ज. अरुणाचल राज्याक धरून खाशेलो उपबंध.**— ह्या संविधानांत कितेंय आसलें तरी,—

(क) अरुणाचल प्रदेशाच्या राज्यांत कायदो आनी सुवेवस्था हांकां धरून खाशेली जापसालदारकी आसतली आनी आपलीं कर्तव्यां पाळटना ते संबंदीं, राज्यपाल, मंत्रीमंडळाचो सल्लो घेवन, जी कृती करपाचे आसात तातूंत आपलो तर्क लडयतलो:

[1] संविधान (त्रेप्पनावो बदल) अधिनेम, 1986, कलम 2 (20-2-1987 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 371छ निविश्ट केलो.

[2] संविधान (पंचावनावो बदल) अधिनेम, 1986, कलम 2 (20-2-1987 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 371ज निविश्ट केलो.

ताका शर्त अशी कीं, जेन्ना राज्यपाल ह्या पोटकलमां खाला आपलो स्वताचो तर्क लडोवन कृती करता तेन्ना हो प्रस्न नासता आनी जर कसलोय विशय आसा वा ना असो कसलोय प्रस्न उप्रासता, तेन्ना राज्यपालाच्या शाणेपणान ताचो निर्णय अखेरचो आसतलो, आनी राज्यपालान जें कितेंय केलें तें ताणें आपल्या स्वताच्या तर्कान कृती करूंक जाय आशिल्ली वा नाशिल्ली ताचे सत्त्यतायेचेर प्रस्न उप्रासचो ना:

ताका आनीक शर्त अशी कीं, राष्ट्रपती राज्यपाला कडल्यान अहवाल मेळटकूच समाधानी आसा वा ना आनी अरुणाचल प्रदेशाच्या राज्यांत कायदो आनी सुवेवस्था हाचे बाबतींत राज्यपालाक हाचे फुडें त्या आदेशांत स्पश्ट केल्ले तारखे पसून अशी जापसालदारकी आसची ना;

(ख) अरुणाचल प्रदेशाचे विधानसभेंत तीस वांगड्यां परस उणे वांगडी आसचे नात.]

[1][**371झ. गोंय राज्याक धरून खाशेलो उपबंध.—** ह्या संविधानांत कितेंय आसलें तरी, गोंय राज्याची विधानसभा तीस वांगड्यां परस उण्या वांगड्यांची आसची ना.]

[2][**371ञ. कर्नाटक राज्याक धरून खाशेलो उपबंध.**—(1) राष्ट्रपतीच्यान, कर्नाटक राज्या संबंदान काडिल्ल्या आदेशा वरवीं, फुडल्या बाबीं खातीर राज्यपालाचो कसलोय खाशेलो जापसालदारकेचो उपबंध करूं येता—

(क) हैदराबाद-कर्नाटक क्षेत्रा खातीर एक वेगळें विकास मंडळ स्थापन करप, हातूंत उपबंध असो की, दर वर्सा राज्याचे विधानसभे मुखार मंडळाच्या कार्याचो अहवाल दवरतले;

(ख) त्या क्षेत्राचेर विकास खर्चा खातीर निधीचें समान वांटप जातलें; पुराय राज्याच्या गरजांक धरून हें आसतलें; आनी

(ग) त्या क्षेत्रांतल्या लोकांक भौशीक रोजगार, शिक्षण, वेवसायीक प्रशिक्षण हातूंत समान संदी आनी सोंपेपणां पुराय राज्याच्या गरजांक धरून आसतलीं.

(2) पोटकलम (1)च्या उप-पोटकलम (ग) खाला काडिल्लो एक आदेश असो उपबंध करूंक शकता, की—

(क) जे विद्यार्थी जल्मान वा राबित्यान त्या क्षेत्रांतले आसात तांकां हैदराबाद-कर्नाटक क्षेत्रांतल्या शिक्षणीक आनी वेवसायीक प्रशिक्षण संस्थांनी सुवातांची प्रमाणबद्द राखीवताय; आनी

---

[1] संविधान (छाप्पनावो बदल) अधिनेम, 1987, कलम 2 (30-5-1987 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 371झ निविश्ट केलो.

[2] संविधान (अठ्याणवावो बदल) अधिनेम, 2012, कलम 2 (1-10-2013 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 371ञ निविश्ट केलो.

(ख) राज्य सरकारांतल्या हुद्द्यांक वा हुद्द्यांच्या वर्गांक आनी हैदराबाद-कर्नाटक क्षेत्रांत राज्य सरकाराच्या ताब्यांत आशिल्ले खंयचेय संघटणेंत वा संस्थेंत आनी जी व्यक्ती जल्मान वा राबित्यान त्या क्षेत्रांतली आसा, तांचे खातीर असल्या पदांची प्रमाणबद्द राखीवताय आनी थेट भरतेन वा बडटेन वा त्या आदेशांत स्पश्ट केल्ले तरेन थंय नेमणूक करपा खातीर.]

**372. विद्यमान आशिल्ल्या कायद्यांचो अंमल चालू उरप आनी तांचें अनुकुलन.**—(1) अनुच्छेद 395 हातूंत निर्दिश्ट केल्ल्या अधिनेमनाचें ह्या संविधाना वरवीं निरसन जाल्लें आसलें तरी मात ह्या संविधानाच्या हेर उपबंधांचे अधीनतायेन, ह्या संविधानाच्या आरंभाचे निकट पयलीं भारताच्या राज्यक्षेत्रांत विद्यमान आशिल्ल्या समग्र कायद्याचो, सक्षम विधीमंडळा कडल्यान वा हेर सक्षम प्राधिकरणा कडल्यान तातूंत फेरबदल, निरसन वा बदल जायसर, थंय अंमल उरतलो.

(2) भारताच्या राज्यक्षेत्रांत विद्यमान आशिल्ल्या खंयच्याय कायद्याचे उपबंध ह्या संविधानाच्या उपबंधां कडेन सुसंवादी करपा खातीर राष्ट्रपतीच्यान आदेशा* वरवीं अश्या कायद्यांत गरजेचीं आनी समयोचीत आसतीत अशीं अनुकुलनां आनी आपरिवर्तनां करूं येतात मागीर तीं निरसनाच्या रुपांत आसूं वा बदलाच्या रुपांत आसूं आनी त्या आदेशांत विनिर्दिश्ट करतले अशे तारखेक वा तेन्ना सावन तो कायदो हे प्रमाणें केल्ल्या अनुकुलनां आनी आपरिवर्तनां सयत परिणामक जातलो असो उपबंध करूं येता, आनी अशें कसलेंय अनुकुलन वा आपरिवर्तन खंयच्याच न्यायालयांत प्रस्नास्पद करूंक मेळचें ना.

(3) पोटकलम (2) हातूंतले खंयचेच बाबीक लागून—

(क) राष्ट्रपतीक खंयच्याय कायद्याचें कसलेंय अनुकुलन वा आपरिवर्तन ह्या संविधानाच्या आरंभा सावन [1][तीन वर्सां] सोंपल्या उपरांत करपाचो अधिकार प्रदान जाता; वा

(ख) उक्त पोटकलमा खाला राष्ट्रपतीन अनुकुलन वा आपरिवर्तन केल्लो खंयचोय कायदो निरसीत करपाक वा बदलपाक खंयच्याच सक्षम विधीमंडळाक वा हेर सक्षम प्राधिकरणाक प्रतिबंध जाता अशें मानचे नात.

---

* कायदे अनुकुलन आदेश, 1950, तारीख 26 जानेवारी, 1950, भारत राजपत्र, असामान्य, पान 449, अधिसुचोवणी क्र. S.R.O. 115, तारीख 5 जून, 1950 वरवीं बदल केल्लो, भारत राजपत्र, असामान्य, भाग II, विभाग 3, पान 51, अधिसुचोवणी क्र. S.R.O. 870, तारीख 4 नोव्हेंबर, 1950, भारत राजपत्र, असामान्य, भाग II, विभाग 3, पान 903, अधिसुचोवणी क्र. S.R.O. 508, तारीख 4 एप्रील, 1951, भारत राजपत्र, असामान्य, भाग II, विभाग 3, पान 287, अधिसुचोवणी क्र. S.R.O. 1140ख, तारीख 2 जुलय, 1952, भारत राजपत्र, असामान्य, भाग II, विभाग 3, पान 616/1, आनी त्रावणकोर-कोचीन भूंय-संपादन अनुकुलन आदेश, 1952, तारीख 20 नोव्हेंबर, 1952 भारत राजपत्र, असामान्य, भाग II, विभाग 3, पान 923 पळोवचें.

[1] संविधान (पयलो बदल) अधिनेम, 1951, कलम 12 (18-6-1951 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "दोन वर्सां" हे सुवातेर घालें.

*फोडणिशी I.*—ह्या अनुच्छेदां खाला "अंमलांत आशिल्लो कायदो" ह्या उतरांनी, ह्या संविधानाच्या आरंभा पयलीं भारताच्या राज्यक्षेत्रांतल्या विधीमंडळान केल्ल्या वा हेर सक्षम प्राधिकरणान पास केल्ल्या आनी पयलीं निरसीत जावंक नाशिल्ल्या कायद्याचो आसपाव आसतलो – मागीर तो वा ताचे भाग त्या काळांत मात्तूय वा खाशेल्या क्षेत्रांनी लागू नाशिल्ले जाल्यारूय हरकत ना.

*फोडणिशी II.*—भारताच्या राज्यक्षेत्रांतल्या विधीमंडळान केल्लो वा हेर सक्षम प्राधिकरणान पास केल्लो जो कायदो ह्या संविधानाच्या आरंभाचे निकटपूर्व राज्यक्षेत्रा भायर परिणामक आशिल्लो आनी तेच परीं भारताच्या राज्यक्षेत्रांत परिणामक आशिल्लो असो खंयचोय कायदो अश्या खंयच्याय पुर्वोक्त अनुकुलनां सयत आनी आपरिवर्तन सयत हे प्रमाणें राज्यक्षेत्रा भायर परिणामक आसपाचें चालू उरतलें.

*फोडणिशी III.*—खंयचोय अस्थायी कायदो हो ताचे समाप्ती खातीर निश्चीत केल्ले तारखेक वा हें संविधान अंमलांत येवंक नाशिल्लें जाल्यार जे तारखेक तो समाप्त जावपाचो ताचे उपरांत ह्या अनुच्छेदांतले खंयचेच बाबीक लागून अंमलांत आसपाचो चालू उरता असो तिचो अर्थ लावचे नात.

*फोडणिशी IV.*—गव्हर्नमॅण्ट ऑफ इण्डिया ऍक्ट, 1935, कलम 88 हे खाला खंयच्याय प्रांताच्या राज्यपालान प्रख्यापीत केल्लो आनी ह्या संविधानाच्या आरंभाचे निकटपूर्व अंमलांत आशिल्लो अध्यादेश, अनुच्छेद 382च्या पोटकलम (1) खाला कार्य करपी, त्या राज्याचे विधानसभेचे अशा आरंभा उपरांतचे पयले बसके उपरांत स सप्तकां सोंपना फुडें, ते पयलीं समनुरूप राज्याच्या राज्यपालान तो फाटीं घेतिल्लो नासल्यार, लागू आसपाचें बंद जातलें आनी ह्या अनुच्छेदांतले खंयचेच बाबीक लागून अशा कसल्याच आदेशाचो अंमल उक्त कालावधी पेल्यान चालू उरता असो तिचो अर्थ लावचे नात.

[1][**372क. कायद्यांचें अनुकुलन करपाचो राष्ट्रपतीचो अधिकार.**—(1) संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, हाच्या आरंभाचे निकटपूर्व भारतांत वा ताच्या खंयच्याय भागांत अंमलांत आशिल्ल्या खंयच्याय कायद्याचे उपबंध त्या अधिनेमा वरवीं बदल जाल्ल्या अश्या ह्या संविधानाच्या उपबंधां कडेन सुसंवादी करपा खातीर राष्ट्रपतीच्यान, 1 नोव्हेंबर, 1957 पयलीं, आदेश[*] काडून ते वरवीं त्या कायद्यांत गरजेचीं वा समयोचीत आसतीत अशीं अनुकुलनां वा आपरिवर्तनां करूं येतात मागीर तीं निरसनाच्या रुपांत आसूं वा बदलाच्या रुपांत आसूं आनी त्या आदेशांत विनिर्दिश्ट करतले अशे तारखेक आनी तेन्नाच्यान तो कायदो हे प्रमाणें केल्ल्या अनुकुलनां सयत आनी आपरिवर्तनां सयत परिणामक जातलो असो उपबंध करूं येता, आनी अशें कसलेंय अनुकुलन वा आपरिवर्तन खंयच्याच न्यायालयांत प्रस्नास्पद करूंक मेळचें ना.

(2) राष्ट्रपतीन उक्त पोटकलमा खाला अनुकुलन केल्लो वा फेरबदल केल्लो खंयचोच कायदो निरसीत करपाक वा बदल करपाक सक्षम विधीमंडळाक वा हेर सक्षम प्राधिकरणाक पोटकलम (1) हातूंतले खंयचेच बाबीक लागून प्रतिबंध जाता अशें मानचे नात.]

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 23 (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[*] कायदे अनुकुलन आदेश 1956 आनी 1957 पळोवचे.

**373. प्रतिबंधक स्थानबद्धतायेंत आशिल्ले व्यक्ती संबंदीं विशिश्ट बाबींनी आदेश करपाचो राष्ट्रपतीचो अधिकार.**—अनुच्छेद 22च्या पोटकलम (7) खाला संसदे कडल्यान उपबंध जावप, वा ह्या संविधानाच्या आरंभा सावन एक वर्स सोंपप हांचे मदली आदली घडणूक जायसर उक्त अनुच्छेद, तातूंतलें पोटकलम (4) आनी (7) हातूंत संसदे संबंदींच्या कसल्याय निर्देशाचे सुवातेर जशे परीं राष्ट्रपती संबंदींचो निर्देश केल्लो आसचो ते प्रमाणें आनी त्या पोटकलमांतल्या खंयच्याय कायद्या संबंदींच्या कसल्याय निर्देशाचे सुवातेर केल्ल्या आदेशा संबंदींचो निर्देश केल्लो आसचो ते प्रमाणें परिणामक जातलें.

**374. फॅडरल न्यायालयाच्या न्यायाधिशां संबंदीं आनी फॅडरल न्यायालयांत वा हीज मॅजस्टी-इन-कावन्सिला मुखार प्रलंबीत आशिल्ल्या कार्यवाह्यां संबंदांत उपबंध.**—(1) ह्या संविधानाच्या आरंभाचे निकटपूर्व पद धारण करीत आशिल्ले फॅडरल न्यायालयाचे न्यायाधीश अशा आरंभा उपरांत, तांणी हेर पर्याय वेंचिल्लो नासल्यार, सर्वोच्च न्यायालयाचे न्यायाधीश जातले आनी ताच्या उपरांत अनुच्छेद 125 खाला सर्वोच्च न्यायालयाच्या न्यायाधिशां संबंदांत उपबंधीत केल्यात अशे पगार आनी भत्ते तशेंच अशी अनुपस्थिती रजा आनी पॅन्शन हांचे संबंदींचे अधिकार हांकां हक्कदार जातले.

(2) ह्या संविधानाच्या आरंभाक फॅडरल न्यायालयांत प्रलंबीत आशिल्ले सगले दिवाणी आनी फौजदारी दावे, अपिलां आनी कार्यवाही सर्वोच्च न्यायालया कडेन संक्रमीत जातलीं, आनी सर्वोच्च न्यायालयाक तांची सुनावणी करपाची आनी तांचेर निर्णय दिवपाची अधिकारिताय आसतली, आनी, ह्या संविधानाच्या आरंभा पयलीं दिल्ले वा केल्ले फॅडरल न्यायालयाचे न्याय-निर्णय आनी आदेश, ते जशे परीं सर्वोच्च न्यायालयान दिल्ले वा केल्ले आसचे तेच प्रमाणें, तितलेच प्रभावी आनी परिणामक आसतले.

(3) भारताच्या राज्यक्षेत्राच्या खंयच्याय न्यायालयाचो कसलोय न्याय-निर्णय, हुकूमनामो वा आदेश हांचे वयलीं वादांचे संबंदींचीं अपिलां तशेंच विनंती अर्ज निकालांत काडपा खातीर हीज-मॅजस्टी-इन-कावन्सिलान अधिकारितायेचो केल्लो वापर जितले मेरेन कायद्या वरवीं प्राधिकृत आसत तितले मेरेन, अशे न्यायाधिकार क्षेत्राचो वापर जाचे वरवीं कायद्या भायलो थारत अश्या तरेन ह्या संविधानांतली खंयचीच बाब प्रवर्तीत जावची ना, आनी अशा कसल्याच अपिलाचेर वा विनंती अर्जाचेर हीज-मॅजस्टी-इन-कावन्सिलान ह्या संविधानाच्या आरंभा उपरांत केल्लो कसलोच आदेश सगल्या प्रयोजनां खातीर, तो जशे परीं ह्या संविधानान सर्वोच्च न्यायालयाक प्रदान केल्ल्या न्यायाधिकार क्षेत्राचो वापर करून अश्या न्यायालयान केल्लो आदेश वा हुकूमनामो आसचो ते प्रमाणें परिणामक जातलो.

(4) पयले अनुसुचींतलो भाग (ख) हातूंत विनिर्दिश्ट केल्ल्या राज्यांत प्रिव्ही कावन्सील म्हूण कार्य करपी प्राधिकरणाची त्या राज्यांतल्या खंयच्याय न्यायालयाचो कसलोय न्याय-निर्णय, हुकूमनामो वा आदेश हांचे वयलीं वा तांचे संबंदींचीं अपिलां आनी विनंती अर्ज स्विकारपाची आनी निकालांत काडपाचे न्यायाधिकारक्षेत्र ह्या संविधानाच्या आरंभाक आनी तेन्ना सावन समाप्त जातलें, आनी अशा आरंभाच्या वेळार उक्त प्राधिकरणा मुखार प्रलंबीत आशिल्लीं सगलीं अपिलां आनी हेर कार्यवाही सर्वोच्च न्यायालया कडेन वर्ग जातलीं आनी तांचे कडल्यान तीं निकालांत येतलीं.

(5) ह्या अनुच्छेदाचे उपबंध कार्यान्वीत करपा खातीर संसदेच्यान आनिकूय उपबंध करूं येतात.

**375. ह्या संविधानाच्या उपबंधांचे अधीनतायेन न्यायालयां, प्राधिकरणां आनी अधिकारी हांचे कार्याधिकार वापरपाचें चालू दवरप.**—भारताच्या संपूर्ण राज्यक्षेत्रांतलीं दिवाणी, फौजदारी आनी म्हासुली न्यायाधिकार क्षेत्रांतलीं सगलीं न्यायालयां, न्यायीक, कार्यकारी आनी प्रशासकी अशीं सगलीं प्राधिकरणां तशेंच अशे सगले अधिकारी ह्या संविधानाच्या उपबंधांचे अधीनतायेन आपआपले अधिकार बजावपाचें चालूच दवरतले.

**376. उच्च न्यायालयांतल्या न्यायाधिशां संबंदीं उपबंध.**—(1) अनुच्छेद 217च्या पोटकलम (2) हातूंत कितेंय आसलें तरी, ह्या संविधानाच्या आरंभाचे निकटपूर्व पद धारण करून आशिल्ले, खंयच्याय प्रांतांतल्या उच्च न्यायालयाचे न्यायाधीश अशा आरंभा उपरांत, तांणी हेर पर्याय स्विकारिल्लो नासल्यार, समनुरूप राज्यांतल्या उच्च न्यायालयांचे न्यायाधीश जातले, आनी ताच्या उपरांत अनुच्छेद 221 खाला अशा उच्च न्यायालयाच्या न्यायाधिशां संबंदीं उपबंधीत केल्ले आसात अशे पगार आनी भत्ते तशेंच अशी अनुपस्थिती रजा आनी पॅन्शनां हांचे संबंदींचे अधिकार हांकां ते हक्कदार जातले. [1][असो खंयचोय न्यायाधीश, तो भारताचो नागरीक नासलो तरीय, अश्या उच्च न्यायालयाचो मुख्य न्यायमुर्ती वा हेर खंयच्याय मुख्य न्यायालयाचो मुख्य न्यायमुर्ती वा हेर न्यायाधीश म्हूण नेमणुकेक पात्र जातलो.]

(2) ह्या संविधानाच्या आरंभाचे निकटपूर्व पद धारण करून आशिल्ले पयले अनुसुचींतल्या भाग ब हातूंत विनिर्दिश्ट केल्ल्या खंयच्याय राज्या कडेन समनुरूप आशिल्ल्या खंयच्याय भारतीय संस्थानांतल्या उच्च न्यायालयाचे न्यायाधीश अशा आरंभा उपरांत, तांणी हेर पर्याय वेंचिल्लो नासल्यार, ते प्रमाणें विनिर्दिश्ट केल्ल्या राज्यांतल्या उच्च न्यायालयाचे न्यायाधीश जातले, आनी अनुच्छेद 217च्या पोटकलम (1) आनी (2) हातूंत कितेंय आसलें तरी, मात त्या अनुच्छेदाच्या पोटकलम (1)च्या परंतुकाचे अधीनतायेन, राष्ट्रपती आदेशा वरवीं थारायत असो कालावधी सोंपसर तें पद धारण करपाचें चालू दवरतले.

(3) ह्या अनुच्छेदांत "न्यायाधीश" ह्या उपरांत कार्यार्थ न्यायाधिशाचो वा अतिरिक्त न्यायाधिशाचो आसपाव ना.

**377. भारताचो नियंत्रक आनी महालेखापरिक्षक हांचे संबंदीं उपबंध.**—ह्या संविधानाच्या आरंभाचे निकटपूर्व पद धारण करून राविल्लो भारताचो महालेखापरिक्षक अशा आरंभा उपरांत, ताणें हेर पर्याय वेंचिल्लो नासल्यार, भारताचो नियंत्रक आनी महालेखापरिक्षक जातलो आनी ताच्या उपरांत अनुच्छेद 148च्या पोटकलम (3) खाला भारताचो नियंत्रक आनी महालेखापरिक्षक हांचे संबंदीं उपबंध केल्यात अशें जायसर अशे पगार आनी अशी अनुपस्थिती रजा आनी पॅन्शनां हांचे संबंदींचे अधिकार हांकां हक्कदार जातलो आनी अशा आरंभाचे निकटपूर्व ताका जे लागू आशिल्ले त्या उपबंधां खाला थारायल्यात ते प्रमाणें ताचो अधिकारकाळ सोंपसर अधिकारपद धारण करपाचें चालू दवरपाचो ताका हक्क आसतलो.

---

[1] संविधान (पयलो बदल) अधिनेम, 1951, कलम 13 (18-6-1951 हे तारखे सावन लागू) वरवीं जोडलें.

**378. लोकसेवा आयोगां संबंदीं उपबंध.**—(1) ह्या संविधानाच्या निकटपूर्व पद धारण करून आशिल्ले डॉमिनियन ऑफ इण्डियाच्या लोकसेवा आयोगाचे वांगडी अशा आरंभा उपरांत, तांणी हेर पर्याय वेंचिल्लो नासल्यार, संघराज्याच्या लोकसेवा आयोगाचे वांगडी जातले आनी अनुच्छेद 316च्या पोटकलम (1) आनी (2) हातूंत कितेंय आसलें तरी, मात त्या अनुच्छेदाच्या पोटकलम (2)च्या परंतुकाचे अधीनतायेन, अशा आरंभाचे निकटपूर्व अशा वांगड्यांक जे लागू आशिल्ले त्या नेमां खाला थारायिल्ले प्रमाणें तांचो अधिकारकाळ सोंपसर तें अधिकारपद धारण करपाचें चालू दवरतले.

(2) ह्या संविधानाच्या आरंभाचे निकटपूर्व अधिकारपद धारण करून आशिल्ले, खंयच्याय प्रांताच्या लोकसेवा आयोगाचे वा खंयच्याय प्रांत समुहाच्या कामांच्यो गरजो पूर्ण करपी लोकसेवा आयोगाचे वांगडी अशा आरंभा उपरांत, तांणी हेर पर्याय वेंचिल्लो नासल्यार, समनुरूप राज्याच्या लोकसेवा आयोगाचे वांगडी वा, त्या-त्या जशें आसत तशें, समनुरूप राज्यांच्या कामांच्यो गरजो पूर्ण करपी संयुक्त राज्य लोकसेवा आयोगाचे वांगडी जातले, आनी अनुच्छेद 316च्या पोटकलम (1) आनी (2) हातूंत कितेंय आसलें तरी, मात त्या अनुच्छेदाच्या पोटकलम (2)च्या परंतुकाचे अधीनतायेन, अशा प्रारंभाचे निकटपूर्व अशा वांगड्यांक जे लागू आशिल्ले त्या नेमां खाला थारायिल्ले प्रमाणें तांचो अधिकारकाळ सोंपसर ते अधिकारपद धारण करपाचें चालू दवरतले.

[1][**378क. आंध्र प्रदेश विधानसभेच्या कालावधी संबंदांत खाशेले उपबंध.**—अनुच्छेद 172 हातूंत कितेंय आसलें तरी, राज्य फेररचणूक अधिनेम, 1956 कलमां 28 आनी 29 हांच्या उपबंधां खाला घडीत जाल्ली अशी आंध्र प्रदेश राज्याची विधानसभा, उक्त कलम 29 हातूंत निर्दिश्ट केल्ले तारखे सावन पांच वर्सांच्या कालावधी मेरेन ते पयलीं बरखास्त जाली ना जाल्यार चालू उरतली, मात ताचे परस चड काळ न्हय, आनी उक्त कालावधी सोंपलो म्हणटकूच परिणामी ती विधानसभा बरखास्त जातली.]

**379.** *[संसद आनी तिचो सभापती आनी उप-सभापती हांकां धरून उपबंध.].—संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें.*

**380.** *[राष्ट्रपतीचो उपबंध.].—संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची(1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें.*

**381.** *[राष्ट्रपतीचें मंत्रीमंडळ.].—संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची(1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें.*

**382.** *[पयल्या परिशिश्टाच्या भाग क त राज्यांच्या विधानसभांचे उपबंध.].—संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची(1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें.*

**383.** *[प्रांतांच्या राज्यपालांचो उपबंध.].—संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची(1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें.*

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 24 (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 378क निविश्ट केलें.

**384.** *[राज्यपालाचें मंत्रीमंडळ.]*.—*संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची(1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें.*

**385.** *[पयल्या परिशिश्टाच्या भाग ख त राज्यांच्या विधानसभांचे उपबंध.]*.—*संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें.*

**386.** *[राज्यां खातीरचें मंत्रीमंडळ.]*.—*संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची(1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें.*

**387.** *[विशिश्ट वेंचणुकां खातीरचे वा कारणां खातीरचे लोकसंख्या थारावपा खातीरच्या खाशेल्या उपबंधा विशीं.]*.—*संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 अनुसुची(1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें.*

**388.** *[तत्पुरते संसदेन आनी राज्यांच्या तत्पुरत्या विधानसभांनी निमित्तीक सुवातो भरपा विशींचो उपबंध.]*.—*संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 अनुसुचीवरवीं (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) काडलें.*

**389.** *[अधिराज्यांची विधीमंडळांनी आनी प्रांतांच्या आनी भारतीय राज्यांच्या विधीमंडळांनी तुंबून उरिल्ल्या विशींचो उपबंध.]*.—*संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 अनुसुची(1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें.*

**390.** *[संविधान सुरू जायत सावन 1950च्या मार्चाच्या 31 व्या दिसा मेरेन मेळिल्लो वा उबारिल्लो दुडू वा जाल्लो खर्च.]*.—*संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 अनुसुची(1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें.*

**391.** *[अधिराज्यांची विधीमंडळांनी आनी प्रांतांच्या आनी भारतीय राज्यांच्या विधीमंडळांनी तुंबून उरिल्ल्या विशींचो उपबंध.]*.—*संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 अनुसुची(1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलें.*

**392. अडचणी निवारण करपाचो राष्ट्रपतीचो अधिकार.**—(1) कसल्योय अडचणी, चड करून गव्हर्नमॅण्ट ऑफ इण्डिया ऍक्ट, 1935 हाच्या उपबंधां कडल्यान हे संविधानाच्या उपबंधां कडेन संक्रमण करपा संबंदींच्यो अडचणी निवारण करपा खातीर राष्ट्रपतीच्यान आदेशा वरवीं अशें निर्देशीत करूं येता की, त्या आदेशांत विनिर्दिश्ट करतले अशा कालावधींत हें संविधान ताका गरजेचीं वा समयोचित दिसतीत अश्या अनुकुलनां सयत परिणामक जातलें – मागीर तीं अनुकुलनां फेरबदल करून वा चड भर घालून केल्लीं आसूं वा तातूंतलें कितेंय काडून उडोवन केल्लीं आसूं:

ताका शर्त अशी कीं, असो कसलोच आदेश भाग Vच्या दुसऱ्या प्रकरणा खाला रीतसर घडीत जाल्ले संसदेचे पयले सभे उपरांत करचे नात.

(2) पोटकलम (1) खाला केल्लो दर एक आदेश संसदे मुखार दवरतले.

(3) हो अनुच्छेद, अनुच्छेद 324, अनुच्छेद 367चें पोटकलम (3) आनी अनुच्छेद 391 हांचे वरवीं राष्ट्रपतीक प्रदान केल्ले अधिकार, ह्या संविधानाच्या आरंभा पयलीं, डॉमिनियम ऑफ इण्डियाच्या गव्हर्नर जनरलाच्यान वापरूं येतात.

# भाग XXII

# संक्षिप्त नांव, आरंभ [1][हिंदी भाशेंत अधिकृत मजकूर] आनी निरसनां

**393. संक्षिप्त नांव.**—ह्या संविधानाक भारताचें संविधान अशें म्हणटले.

**394. आरंभ.**—हो अनुच्छेद आनी अनुच्छेद 5, 6, 7, 8, 9, 60, 324, 366, 367, 379, 380, 388, 391, 392 आनी 393 तत्काळ अंमलांत येतले, आनी ह्या संविधानाचे बाकीचे उपबंध, ह्या संविधानांत ह्या संविधानाचो आरंभ दीस म्हूण जो निर्दिश्ट केला त्या सव्वीस जानेवारी 1950 ह्या दिसा अंमलांत येतले.

[2][**394क. हिंदी भाशेंतलो अधिकारक मजकूर.**—(1) राष्ट्रपती आपल्या अधिकारांत ह्यो बाबी प्रकाशीत करपाचें करतलो,—

(क) ह्या संविधानाचो हिंदी भाशेंत अणकार संविधान सभेच्या हिंदी भाशेंत आशिल्ल्या केंद्रीय कायद्याचो अधिकारक मजकूर जातूंत भाशा, मोद आनी परिभाशा हांचे कडेन जुळटा अशें करूंक गरजेची अशी आसत त्या परिवर्तनां सयत, आनी अश्या प्रकाशनां पयलीं ह्या संविधानांत केल्ल्या सगल्या बदलांचो आसपाव केला; आनी

(ख) ह्या संविधानाचे दर एका बदलाचो हिंदी भाशेंतल्यान केल्लो इंग्लीश भाशेंतलो अणकार.

(2) ह्या संविधानाचो अणकार आनी ते विशींचो दर एक बदल जी पोटकलम (1) सकयल प्रकाशीत जाल्या तिका मूळ प्रती भशेनूच तोच अर्थ आसा अशें मानतले आनी जर अशा अणकाराचो खंयचोय भाग अशे तरेन प्रकाशीत करतना कसलीय अडचण येत जाल्यार राष्ट्रपती तो फावो तसो बदलतलो.

(3) ह्या संविधानाचो आनी ताचे ह्या अनुच्छेदा सकयल प्रकाशीत जाल्ले दर एके बदलाचो अणकार, सगल्या कारणां खातीर, ते विशींचो हिंदी भाशेंतलो अधिकारक मजकूर अशें मानतले.]

**395. निरसण्यो.**—हे वरवीं इण्डियन इण्डिपॅण्डॅन्स ऍक्ट, 1947, आनी गव्हर्नमॅण्ट ऑफ इण्डिया ऍक्ट, 1935 निरसीत केल्यात. हातूंतल्या दुसऱ्या अधिनेमाच्या सगल्या बदलपी आनी पुरक अधिनेमांचोय हातूंत आसपाव आसा, पूण हातूंत प्रिव्ही कावन्सिल न्यायाधिकार क्षेत्र निरसन अधिनेम, 1949, हांचो आसपाव ना.

---

[1] संविधान (अठ्ठावनावो बदल) अधिनेम, 1987, कलम 2 (9-12-1987 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[2] कित्तो- कलम 3 (9-12-1987 हे तारखे सावन लागू) वरवीं अनुच्छेद 394क निविश्ट केलें.

# [1][पयली अनुसुची
# [अनुसुची 1 आनी 4]

## I. राज्यां

| *नांव* | *विस्तार* |
|---|---|
| 1. आंध्र प्रदेश | [2][आंध्र राज्य अधिनेम, 1953च्या कलम 3च्या उप-कलम (1), राज्य फेररचणूक अधिनेम, 1956च्या कलम 3च्या उप-कलम (1), आंध्रप्रदेश आनी मद्रासाचें पयलें अनुसुची (शिमांचो फेरबदल) अधिनेम, 1959, आनी आंध्र प्रदेश आनी म्हैसूर (प्रदेश हस्तांतरण) अधिनेम, 1968ची अनुसुची, पूण आंध्र प्रदेश आनी मद्रास (शिमांचो फेरबदल) अधिनेम, 1959चे दुसरे अनुसुचींत सांगिल्ले प्रदेश सोडून] [3][आनी आंध्र प्रदेश पुनर्निर्मिती अधिनेम, 2014च्या कलम 3त स्पश्ट केल्ले प्रदेश]. |
| 2. आसाम | आसाम ह्या संविधानाच्या आरंभा आदीं आसाम प्रांत, खासी राज्यां आनी आसाम अनुसुचीत जमाती वाठार हातूंत आशिल्लीं, पूण आसाम (शिमांनी फेरबदल) अधिनेम 1951चे अनुसुचींतल्यान वर्जिल्लीं राज्यक्षेत्रां [4][आनी नागालॅण्ड राज्य अधिनेम, 1962च्या कलम 3च्या उप-कलम (1) हातूंत उल्लेखीत राज्यक्षेत्रां] [5][पुर्वोत्तर वाठार (फेररचणूक) अधिनेम, 1971च्या 5, 6, आनी 7 ह्या कलमांनी उल्लेखीत राज्यक्षेत्रां [6][आनी संविधान (शंबरावो बदल) अधिनेम, 2015चे दुसरे अनुसुचीच्या भाग I हातूंत उल्लेख केल्लीं राज्यक्षेत्रां, संविधान (णववो बदल) अधिनेम 1960च्या कलम 3च्या उप-कलम (अ)त आशिल्ल्या कित्याचोच परिणाम जायनासतना, जितले मेरेन संविधान (शंबरावो बदल) अधिनेम, 2015चे दुसरे अनुसुचीच्या पयल्या वांट्यांत उल्लेख केल्ल्या राज्यक्षेत्रांक लागू जाता.] |

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 2 (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं पयले अनुसुचीचे सुवातेर घालें.

[2] आंध्र प्रदेश आनी म्हैसूर (राज्यक्षेत्रांचें हस्तांतरण) अधिनेम, 1968 (1968चो 36वो), कलम 4 (1-10-1968 हे तारखे सावन लागू) वरवीं पयलींचे नोंदीचे सुवातेर घालें.

[3] आंध्र प्रदेश फेररचणूक अधिनेम, 2014 (2014चो 6वो), कलम 10 (2-6-2014 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[4] नागालॅण्ड राज्य अधिनेम, 1962 (1962चो 27वो), कलम 4 (1-12-1963 हे तारखे सावन लागू) वरवीं जोडलें.

[5] पुर्वोत्तर वाठार (फेररचणूक) अधिनेम, 1971 (1971चो 81वो), कलम 9 (21-1-1972 हे तारखे सावन लागू) वरवीं जोडलें.

[6] संविधान (शंबरावो बदल) अधिनेम, 2015, कलम 3 (31-7-2015 हे तारखे सावन लागू) वरवीं जोडलें. कायद्याचो मजकूर पळोवंक, परिशिश्ट I पळ्यात.

(पयली अनुसुची)

| *नांव* | *विस्तार* |
|---|---|
| 3. बिहार | [1][हें संविधान चालीक लागचे पयलींच रोखडेंच जे प्रदेश बिहार प्रांतांत आशिल्ले वा ह्या प्रांताच्या प्रशासकी देखरेखी खाला आशिल्ले आनी बिहारच्या कलम 3च्या उप-कलम (1)च्या पोटकलम (अ) प्रमाणें आनी उत्तर प्रदेश (शिमांचो फेरबदल) अधिनेम, 1968, पूण बिहार आनी पश्चीम बंगाल (प्रदेश हस्तांतरण) कायद्याच्या कलम 3च्या उप-कलम (1)त स्पश्ट केल्ले प्रदेश सोडून,1956, आनी पयल्या उल्लेख केल्ल्या कायद्याच्या कलम 3च्या उप-कलम (1)च्या पोटकलम (ब)त स्पश्ट केल्ले प्रदेश, [2][आनी कलम 3त स्पश्ट केल्ले बिहार फेररचणूक अधिनेम, 2000].] |
| [3][4. गुजरात | बॉम्बे फेररचणूक अधिनेम, 1960 कलम 3चें उप-कलम (1) हातूंत निर्दिश्ट केल्लीं राज्यक्षेत्रां.] |
| 5. केरळ | राज्य फेररचणूक अधिनेम, 1956 कलम 5 उप-कलम (1) हातूंत विनिर्दिश्ट केल्लीं राज्यक्षेत्रां. |
| 6. मध्य प्रदेश | राज्य फेररचणूक अधिनेम, 1956च्या कलम 9च्या उप-कलम (1)त स्पश्ट केल्ले प्रदेश [4][आनी राजस्थान आनी मध्य प्रदेश (प्रदेश हस्तांतरण) अधिनेम, 1959ची पयली अनुसुची], [5][पूण मध्य प्रदेश फेररचणूक अधिनेम, 2000च्या कलम 3 हातूंत स्पश्ट केल्ले प्रदेश सोडून]. |

[1] बिहार आनी उत्तर प्रदेश (शिमांचो फेरबदल) अधिनेम, 1968 (1968चो 24वो), कलम 4 (10-6-1970 हे तारखे सावन लागू) वरवीं मूळ नोंदीचे सुवातेर घालें.

[2] बिहार फेररचणूक अधिनेम, 2000 (2000चो 30वो), कलम 5 (15-11-2000 हे तारखे सावन लागू) वरवीं जोडलें.

[3] बॉम्बे फेररचणूक अधिनेम, 1960 (1960चो 11वो), कलम 4 (1-5-1960 हे तारखे सावन लागू) वरवीं सुवातेर घालें.

[4] राजस्थान आनी मध्य प्रदेश (राज्यक्षेत्रांचें हस्तांतरण) अधिनेम, 1959 (1959चो 47वो), कलम 4 वरवीं (1-10-1959 हे तारखे सावन लागू) निविश्ट केलें.

[5] मध्य प्रदेश फेररचणूक अधिनेम, 2000 (2000चो 28वो), कलम 5 (1-11-2000 हे तारखे सावन लागू) वरवीं जोडलें.

| *नांव* | *विस्तार* |
|---|---|
| [1][7. तमीळनाडू] | ह्या संविधानाच्या आरंभाचे निकटपूर्व जीं एकतर मद्रास प्रांतांत आशिल्लीं वा जशे परीं ती त्या प्रांताचे भाग आशिल्लीं अशे तरेन प्रशासीत जातलीं तीं राज्यक्षेत्रां आनी राज्य फेररचणूक अधिनेम, 1956 कलम 4 [2][तशेंच आंध्र प्रदेश आनी मद्रास (शिमांचो फेरबदल) अधिनेम, 1959 हाची दुसरी अनुसुची] हातूंत विनिर्दिश्ट केल्लीं राज्यक्षेत्रां, पूण आंध्र राज्य अधिनेम 1953 कलम 3 उप-कलम (1) आनी कलम 4 उप-कलम (1) हातूंत विनिर्दिश्ट केल्लीं राज्यक्षेत्रां आनी, [3][राज्य फेररचणूक अधिनेम, 1956 कलम 5 चो उप-कलम (1) पोटकलम (ब) कलम 6 आनी कलम 7 – उप-कलम (1) पोटकलम (घ) हातूंत विनिर्दिश्ट केल्लीं राज्यक्षेत्रां आनी आंध्र प्रदेश तशेंच मद्रास (शिमांचो बदल) अधिनेम, 1959 हाचे पयले अनुसुचींत केल्लीं राज्यक्षेत्रां] सोडून. |
| [4][8. महाराष्ट्र | राज्य फेररचणूक अधिनेम, 1956, कलम 8 उप-कलम (1) हातूंत विनिर्दिश्ट केल्लीं राज्यक्षेत्रां, पूण बॉम्बे फेररचणूक अधिनेम, 1960, कलम 3 उप-कलम (1) हातूंत निर्दिश्ट केल्लीं राज्यक्षेत्रां सोडून.] |
| [5][[6][9.] कर्नाटक] | राज्य फेररचणूक अधिनेम 1956 कलम 7 उप-कलम (1) हातूंत विनिर्दिश्ट केल्लीं राज्यक्षेत्रां, [7][पूण आंध्र प्रदेश आनी म्हैसूर (राज्यांचें हस्तांतरण) अधिनेम, 1968 हाचे अनुसुचींत विनिर्दिश्ट केल्लें राज्यक्षेत्र सोडून.] |

[1] मद्रास राज्य (नांवांत फेरबदल) अधिनेम, 1968 (1968चो 53वो), कलम 5 (14-1-1969 हे तारखे सावन लागू) वरवीं " 7. मद्रास" हे सुवातेर घालें.

[2] आंध्र प्रदेश आनी मद्रास (शिमांचो फेरबदल) अधिनेम, 1959 (1959चो 56वो), कलम 6 (1-4-1960 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[3] कित्तो- कलम 6 (1-4-1960 हे तारखे सावन लागू) वरवीं कांय विशिश्ट उतरांचे सुवातेर घालें.

[4] बॉम्बे फेररचणूक अधिनेम, 1960 (1960चो 11वो), कलम 4 (1-5-1960 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[5] म्हैसूर राज्य (नांवांत फेरबदल) अधिनेम, 1973 (1973चो 31वो), कलम 5 (1-11-1973 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "9. म्हैसूर" हे सुवातेर घालें.

[6] बॉम्बे फेररचणूक अधिनेम, 1960 (1960चो 11वो), कलम 4 (1-5-1960 हे तारखे सावन लागू) वरवीं 8 ते 14 ह्या नोंदींक 9 ते 15 अशे फेरअंकिकृत केलें.

[7] आंध्र प्रदेश आनी म्हैसूर (राज्यक्षेत्रांचें हस्तांतरण) अधिनेम, 1968 (1968चो 36वो), कलम 4 (1-10-1968 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

(पयली अनुसुची)

| *नांव* | *विस्तार* |
|---|---|
| [1][10.] [2][ ओडिशा] | संविधान चालीक लागचे पयलीं जे प्रदेश एक तर ओरिसा प्रांतांत आशिल्ले वा त्या प्रांताचो भाग आशिल्ले वरी तांचें काम चलतालें. |
| [1][11.] पंजाब | राज्य फेररचणूक अधिनेम, 1956, कलम 11 हातूंत विनिर्दिश्ट केल्लीं राज्यक्षेत्रां [3][आनी संपादीत राज्यक्षेत्रां (विलिनीकरण) अधिनेम, 1960 हांचे पयले अनुसुचींतलो भाग 2 हातूंत विनिर्दिश्ट केल्लीं राज्यक्षेत्रां] [4][पूण संविधान (णववो बदल) अधिनेम 1960 हाचे पयले अनुसुचींतल्या दुसऱ्या भागांत विनिर्दिश्ट केल्लीं राज्यक्षेत्रां ] [5][आनी पंजाब फेररचणूक अधिनेम 1966, कलम 3, उप-कलम (1) कलम 4 आनी कलम 5 उप-कलम (1) हातूंत विनिर्दिश्ट केल्लीं राज्यक्षेत्रां] सोडून.] |
| [1][12.] राजस्थान | राज्य फेररचणूक अधिनेम, 1956, कलम 10 हातूंत निर्दिश्ट केल्लीं राज्यक्षेत्रां, [6][पूण राजस्थान आनी प्रदेश (राज्यक्षेत्रांचें हस्तांतरण) अधिनेम 1959 हाचे पयले अनुसुचींत विनिर्दिश्ट केल्लीं राज्यक्षेत्रां सोडून.] |

[1] बॉम्बे फेररचणूक अधिनेम, 1960 (1960चो 11वो), कलम 4 (1-5-1960 हे तारखे सावन लागू) वरवीं 8 ते 14 ह्या नोंदींक 9 ते 15 अशे फेरअंकिकृत केलें.

[2] ओरिसा राज्य (नांवांत फेरबदल) अधिनेम, 2011 (2011चो 15वो), कलम 6 (1-11-2011 हे तारखे सावन लागू) "ओरिसा" वरवीं हे सुवातेर घालें.

[3] संपादीत राज्यक्षेत्रां अधिनेम, 1960 (1960चो 64वो), कलम 4 (17-1-1961 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[4] संविधान (णववो बदल) अधिनेम, 1960, कलम 3 (17-1-1961 हे तारखे सावन लागू) वरवीं जोडलें.

[5] पंजाब फेररचणूक अधिनेम, 1966 (1966चो 31वो), कलम 7 (1-11-1966 हे तारखे सावन लागू) वरवीं जोडलें.

[6] राजस्थान आनी मध्यप्रदेश (राज्यक्षेत्रांचें हस्तांतरण) अधिनेम, 1959 (1959चो 47वो), कलम 4 (1-10-1959 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

| *नांव* | *विस्तार* |
|---|---|
| [1][13.] उत्तर प्रदेश | [2][संविधान चालीक लागचे पयलीं जे प्रदेश एक तर संयुक्त प्रांत ह्या नांवान वळखतात त्या प्रांतांत आसपावले वा त्या प्रांताचो भाग आशिल्ले भशेन, बिहाराच्या कलम 3च्या उप-कलम (1)च्या पोटकलम (ख)त स्पश्ट केल्ले प्रदेश अशे चलताले आनी उत्तर प्रदेश (शिमांचो फेरबदल) अधिनेम, 1968, आनी हरियाणाच्या कलम 4च्या उप-कलम (1)च्या पोटकलम (ख)त स्पश्ट केल्ले प्रदेश आनी उत्तर प्रदेश (शिमांचो फेरबदल) अधिनेम, 1979, आनी पूण बिहाराच्या कलम 3च्या उप-कलम (1) च्या पोटकलम (क)त स्पश्ट केल्ले आनी उत्तर प्रदेश (शिमांचो फेरबदल) अधिनेम, 1968, [3][हातूंतले प्रदेश सोडून आनी उत्तर प्रदेश फेररचणूक अधिनेम, 2000च्या कलम 3 त स्पश्ट केल्ले प्रदेश आनी हरियाणाच्या कलम 4च्या उप-कलम (1)च्या पोटकलम (क)त स्पश्ट केल्ले प्रदेश आनी उत्तर प्रदेश (शिमांचो फेरबदल) अधिनेम, 1979.] |
| [1][14.] पश्चीम बंगाल | तीं राज्यक्षेत्रां जीं ह्या संविधानाच्या आरंभा आदीं एक तर पश्चीम बंगाल प्रांतांत आशिल्लीं वा त्या प्रांताचो वांटोच आशिल्ले वरीं प्रशासीत जातालीं वा चंद्रनगर (विलिनीकरण) अधिनेम, 1954च्या कलम 2च्या पोटकलम (क)त व्याख्या केल्ले प्रमाणें चंद्रनगर राज्यक्षेत्र, आनी तेच भशेन बिहार आनी पश्चीम बंगाल (राज्यक्षेत्रांचें हस्तांतरण) अधिनेम, 1956च्या कलम 3च्या उप-कलम (1)त उल्लेखीत राज्यक्षेत्रां [4][आनी पयले अनुसुचीच्या भाग III हातूंत उल्लेखीत पूण संविधान (शंबरावो बदल) अधिनेम, 2015 चे दुसरे अनुसुचीच्या वांटो III हातूंत उल्लेखीत राज्यक्षेत्रांतल्यान भायर दवरिल्लीं राज्यक्षेत्रांय संविधान (णववो बदल) अधिनेम, 1960च्या कलम 3च्या पोटकलम (इ)त कितेंय आसलें तरी, जितले मेरेन तें संविधान (शंबरावो बदल) अधिनेम, 2015चे पयले अनुसुचीच्या भाग III हातूंत उल्लेखीत राज्यक्षेत्रां आनी दुसरे अनुसुचीच्या भाग III हातूंत उल्लेखीत राज्यक्षेत्रां हांचे कडेन संबंदीत आसा.] |

[1] बॉम्बे फेररचणूक अधिनेम, 1960 (1960चो 11वो), कलम 4 (1-5-1960 हे तारखे सावन लागू) वरवीं 8 ते 14 ह्या नोंदींक 9 ते 15 अशे फेरअंकिकृत केलें.

[2] हरियाणा आनी उत्तर प्रदेश (शिमांचो फेरबदल) अधिनेम, 1979 (1979चो 31वो), कलम 5 (15-9-1983 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "13. उत्तर प्रदेश" हे सुवातेर घालें.

[3] उत्तर प्रदेश फेररचणूक अधिनेम, 2000 (2000चो 29वो), कलम 5 (9-11-2000 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[4] संविधान (शंबरावो बदल) अधिनेम, 2015, कलम 3 (31-7-2015 हे तारखे सावन लागू) वरवीं जोडलें. अधिनेमाच्या मजकुरा खातीर परिशिश्ट I पळयात.

| *नांव* | *विस्तार* |
|---|---|
| [1][[2][** | * * *]] |
| [3][[4][15.] नागालॅण्ड | नागालॅण्ड राज्य अधिनेम, 1962च्या कलम 3च्या उप-कलम (1)त स्पश्ट केल्ले प्रदेश.] |
| [3][[5][16.] हरयाणा | [6][पंजाब फेररचणूक अधिनेम, 1966च्या कलम 3च्या उप-कलम (1)त स्पश्ट केल्ले प्रदेश आनी हरियाणाच्या कलम 4च्या उप-कलम (1)च्या पोटकलम (अ)त स्पश्ट केल्ले प्रदेश आनी उत्तर प्रदेश (शिमांचो फेरबदल) अधिनेम, 1979, पूण कायद्याच्या कलम 4च्या उप-कलम (1)च्या पोटकलम (v)त स्पश्ट केल्ले प्रदेश सोडून.]] |
| [3][[7][17.] हिमाचल प्रदेश | हें संविधान चालीक लागचे पयलीं रोखडेंच, जे प्रदेश हिमाचल प्रदेश आनी बिलासपूरच्या नांवान मुखेल आयुक्त प्रांत आशिल्ले भशेन चलताले आनी पंजाब फेररचणूक अधिनेम, 1966च्या कलम 5च्या उप-कलम (1)त स्पश्ट केल्ले प्रदेश.] |
| [3][[8][18.] मणिपूर | हें संविधान चालीक लागचे निकटपूर्व जो प्रदेश मणिपूर नांवान मुखेल आयुक्त प्रांता भशेन कार्य करतालो.] |

[1] **जम्मू आनी काश्मीर फेररचणूक अधिनेम, 2019 (2019चो 34वो), कलम 6 (31-10-2019 हे तारखे सावन लागू) वरवीं जम्मू आनी काश्मीर हाचे कडेन संबंदीत नोंद 15 वगळायली.

[2] बॉम्बे फेररचणूक अधिनेम, 1960 (1960चो 11वो), कलम 4 (1-5-1960 हे तारखे सावन लागू) वरवीं 8 ते 14 ह्या नोंदींक 9 ते 15 अशे फेरअंकिकृत केलें.

[3] जम्मू आनी काश्मीर फेररचणूक अधिनेम, 2019 (2019चो 34वो), कलम 6 (31-10-2019 हे तारखे सावन लागू) वरवीं 16 ते 29 ह्या नोंदींक 15 ते 28 अशे फेरअंकिकृत केलें.

[4] नागालॅण्ड राज्य अधिनेम, 1962 (1962चो 27वो), कलम 4 (1-12-1963 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[5] पंजाब फेररचणूक अधिनेम, 1966 (1966चो 31वो), कलम 7 (1-11-1966 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें आनी ते नोंदी उपरांत हरियाणा आनी उत्तर प्रदेश (शिमांचो फेरबदल) अधिनेम, 1979 (1979 चो 31वो), कलम 5 (15-9-1983 हे तारखे सावन लागू) वरवीं बदल्ली.

[6] हरयाणा आनी उत्तर प्रदेश (शिमांचो फेरबदल) अधिनेम, 1979 (1979चो 31वो), कलम 5 (15-9-1983 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "17. हरयाणा" हे सुवातेर घालें.

[7] हिमाचल प्रदेश राज्य अधिनेम, 1970 (1970चो 53वो), कलम 4 (25-1-1971 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[8] पुर्वोत्तर वाठार (फेररचणूक) अधिनेम, 1971 (1971चो 81वो), कलम 9 (21-1-1972 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

| नांव | विस्तार |
|---|---|
| [1][19.] त्रिपुरा | ह्या संविधानाच्या आरंभा आदीं जें राज्यक्षेत्र मुखेल आयुक्ताचो प्रांत आशिल्ले भशेन त्रिपुरा ह्या नांवान प्रशासीत आशिल्लें [2][आनी संविधान (णववो बदल) अधिनेम, 1960च्या कलम 3च्या पोटकलम (ड) हातूंत कितेंय आसलें तरी, जे मेरेन संविधान (शंबरावो बदल) अधिनेम, 2015चे पयले अनुसुचीचो वांटो II हातूंत उल्लेखीत राज्यक्षेत्रां कडेन संबंदीत आसा, तीं संविधान (शंबरावो बदल) अधिनेम, 2015चे दुसरे अनुसुचीचो वांटो II हातूंत उल्लेखिल्लीं राज्यक्षेत्रां.] |
| [1][20.] मेघालय | पुर्वोत्तर वाठार (फेररचणूक) अधिनेम, 1971च्या कलम 5 हातूंत नामोल्लेखीत राज्यक्षेत्रां] [2][आनी संविधान (शंबरावो बदल) अधिनेम, 2015चे पयले सुचीचो वांटो I हातूंत उल्लेखीत राज्यक्षेत्रां पूण दुसरे अनुसुचीच्या वांटो II हातूंत उल्लेखिल्ली राज्यक्षेत्रां सोडून.] |
| [1][[3][21.] सिक्कीम | सिक्कीम प्रदेश वाठार जो संविधान चालीक लागचे पयलीं (छत्तिसावो बदल) अधिनेम, 1975, सिक्कीमांत आसपावीत केल्लो. |
| [1][[4][22.] मिझोराम | पुर्वोत्तर वाठार (फेररचणूक) अधिनेम, 1971च्या कलम 6त स्पश्ट केल्ले प्रदेश.] |
| [1][[5][23.] अरुणाचल प्रदेश | पुर्वोत्तर वाठार (फेररचणूक) अधिनेम, 1971च्या कलम 7त स्पश्ट केल्लीं राज्यक्षेत्रां.] |
| [1][[6][24.] गोंय | गोंय, दमण आनी दीव फेररचणूक अधिनेम, 1987च्या कलम 3त स्पश्ट केल्लीं राज्यक्षेत्रां.] |

[1] जम्मू आनी काश्मीर फेररचणूक अधिनेम,2019 (2019चो 34वो), कलम 6 (31-10-2019 हे तारखे सावन लागू) वरवीं 16 ते 29 ह्यो नोंदी 15 ते 28 अश्यो फेरअंकिकृत केल्यो.

[2] संविधान (शंबरावो बदल) अधिनेम, 2015, कलम 3 (31-7-2015 हे तारखे सावन लागू) वरवीं जोडलें. अधिनेमाच्या मजकुरा खातीर परिशिश्ट I पळयात.

[3] संविधान (छत्तिसावो बदल) अधिनेम,1975, कलम 2 (26-4-1975 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[4] मिझोराम राज्य अधिनेम, 1986 (1986चो 34वो), कलम 4 (20-2-1987 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[5] अरुणाचल प्रदेश फेररचणूक अधिनेम, 1986 (1986चो 69वो), कलम 4 (20-2-1987 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[6] गोंय, दमण आनी दीव फेररचणूक अधिनेम, 1987 (1987चो 18वो), कलम 5 (30-5-1987 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

(पयली अनुसुची)

| *नांव* | *विस्तार* |
|---|---|
| [1][[2][25.] छत्तीसगड | मध्य प्रदेश फेररचणूक अधिनेम, 2000च्या कलम 3त स्पश्ट केल्लीं राज्यक्षेत्रां.] |
| [1][[3][26.] [4][उत्तराखंड] | उत्तर प्रदेश फेररचणूक अधिनेम, 2000च्या कलम 3त स्पश्ट केल्लीं राज्यक्षेत्रां.] |
| [1][[5][27.] झारखंड | बिहार फेररचणूक अधिनेम, 2000च्या कलम 3त स्पश्ट केल्लीं राज्यक्षेत्रां.] |
| [1][[6][28.] तेलंगण | आंध्र प्रदेश फेररचणूक अधिनेम, 2014च्या कलम 3त स्पश्ट केल्लीं राज्यक्षेत्रां.] |

## II. केंद्रशासीत प्रदेश

| *नांव* | *विस्तार* |
|---|---|
| 1. दिल्ली | ह्या संविधानाच्या आरंभाचे निकटपूर्व दिल्ली ह्या चीफ कमिशनर प्रांतांत जें आसपावीत आशिल्लें तें राज्यक्षेत्र. |
| [7][* | * * * *] |
| [8][2.] अंदमान आनी निकोबार जुंवे | ह्या संविधानाच्या आरंभाचे निकटपूर्व अंदमान आनी निकोबार जुंवे ह्या चीफ कमिशनर प्रांतांत जें आसपावीत आशिल्लें तें राज्यक्षेत्र. |

[1] जम्मू आनी काश्मीर फेररचणूक अधिनेम, 2019 (2019चो 34वो), कलम 6 (31-10-2019 हे तारखे सावन लागू) वरवीं 16 ते 29 ह्यो नोंदी 15 ते 28 अश्यो फेरअंकिकृत केल्यो.

[2] मध्य प्रदेश फेररचणूक अधिनेम, 2000 (2000चो 28वो), कलम 5 (1-11-2000 हे तारखे सावन लागू) वरवीं जोडलें.

[3] उत्तर प्रदेश फेररचणूक अधिनेम, 2000 (2000चो 29वो), कलम 5 (9-11-2000 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[4] उत्तरांचल (नांवांत फेरबदल) अधिनेम, 2006 (2006चो 52वो), कलम 4 (1-1-2007 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "उत्तरांचल" हे सुवातेर घालें.

[5] बिहार फेररचणूक अधिनेम, 2000 (2000चो 30वो), कलम 5 (15-11-2000 हे तारखे सावन लागू) वरवीं जोडलें.

[6] आंध्र प्रदेश फेररचणूक अधिनेम, 2014, कलम 10 (2-6-2014 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[7] हिमाचल प्रदेश राज्य अधिनेम, 1970 (1970चो 53वो), कलम 4 (25-1-1971 हे तारखे सावन लागू) वरवीं संबंदीत नोंद क्रमांक 2 काडल्या आनी नोंदी 3 ते 10 ह्यो 2 ते 9 अश्यो फेरअंकिकृत केल्यात आनी उपरांत मणिपूर आनी त्रिपुरा हांचे कडेन संबंदीत नोंदी (म्हणजेच नोंदी 2 आनी 3) पुर्वोत्तर वाठार फेररचणूक अधिनेम 1971(1971चो 81वो), कलम 9 (21-1-1972 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडल्यात.

[8] पुर्वोत्तर वाठार (फेररचणूक) अधिनेम, 1971 (1971चो 81वो ), कलम 9 (21-1-1972 हे तारखे सावन लागू) वरवीं 4 ते 9 ह्यो नोंदी 2 ते 7 अश्यो फेरअंकिकृत केल्यात.

| *नांव* | *विस्तार* |
| --- | --- |
| [1][3.] [2][लक्षद्वीप] | राज्य फेररचणूक अधिनेम 1956 कलम 6 हातूंत विनिर्दिश्ट केल्लें राज्यक्षेत्र. |
| [3][[1][4.] दादरा आनी नगर हवेली आनी दमण आनी दीव | ऑगस्ट 1961च्या इकराव्या दिसाच्या ज्युस्त आदीं मुक्त दादरा आनी नगर हवेली तशेंच गोंय, दमण आनी दीव फेररचणूक अधिनेम, 1987च्या कलम 4त स्पश्ट केल्ल्या प्रदेशांत आसपावीत आशिल्ली.] |
| [4][[1][*][3][ | * * * *] |
| [5][[1][6.] [6][पुदुच्चेरी] | ऑगस्ट 1962 हाच्या ज्युस्त सोळाव्या दिसा आदीं जे प्रदेश भारतांतल्या पुदुच्चेरी, कारैकल, माहे आनी यानम ह्या नांवांनी वळखताले त्या फ्रांस व्याप्त प्रदेशांनी आसपावले.] |
| [7][[1][7.] चंडीगड | पंजाब फेररचणूक अधिनेम, 1966, कलम 4 हातूंत आसपावीत केल्लीं राज्यक्षेत्रां.] |

[1] पुर्वोत्तर वाठार (फेररचणूक) अधिनेम, 1971 (1971 81वो), कलम 9 (21-1-1972 हे तारखे सावन लागू) वरवीं 4 ते 9 ह्यो नोंदी 2 ते 7 अश्यो फेरअंकिकृत केल्यो.

[2] लेकेडिव्ह, मिनिकोय आनी आमीनदिवी जुवें (नांवांत फेरबदल) अधिनेम, 1973 (1973चो 34वो), कलम 5 (1-11-1973 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "लेकेडिव्ह, मिनिकोय आनी आमीनदिवी जुंवे" हे सुवातेर घालें.

[3] संविधान (धावो बदल) अधिनेम, 1961, कलम 2 (11-8-1961 हे तारखे सावन लागू) वरवीं हें दादरा आनी नगर हवेलीक संबंदीत नोद 4 अशें निविश्ट केलें. आनी उपरांत दादरा आनी नगर हवेली, दमण आनी दीव (केंद्रशासीत प्रदेशांचें विलिनीकरण) अधिनेम, 2019 (2019चो 44वो) कलम 5 (19-12-2019 हे तारखे सावन लागू) वरवीं नोंदी 4 आनी 5 हे सुवातेर घालें.

[4] गोंय, दमण आनी दीव (फेररचणूक) अधिनेम, 1987 (1987चो 18वो), कलम 5 (30-5-1987 हे तारखे सावन लागू) वरवीं नोंद 5 म्हूण घालें.

[5] संविधान (चवदावो बदल) अधिनेम, 1962, कलम 3 (पूर्वलक्षी प्रभावान) वरवीं निविश्ट केलें.

[6] पुदुच्चेरी (नांवांत फेरबदल) अधिनेम, 2006 (2006चो 44वो), कलम 5 (1-10-2006 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पुदुच्चेरी" हे सुवातेर घालें.

[7] पंजाब फेररचणूक अधिनेम, 1966 (1966चो 31वो), कलम 7 (1-11-1966 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

(पयली अनुसुची)

| *नांव* | *विस्तार* |
|---|---|
| [1][* | * * * *] |
| [1][* | * * * *] |
| [2][8. जम्मू आनी काश्मीर | जम्मू आनी काश्मीर फेररचणूक अधिनेम 2019च्या कलम 4त स्पश्ट केल्लीं राज्यक्षेत्रां. |
| 9. लदाख | जम्मू आनी काश्मीर फेररचणूक अधिनेम 2019च्या कलम 3त स्पश्ट केल्लीं राज्यक्षेत्रां.] |

[1] मिझोराम राज्य अधिनेम, 1986 (1986चो 34वो), कलम 4 (20-2-1987 हे तारखे सावन लागू) वरवीं मिझोरामा कडेन संबंदीत नोंद 8 काडली, आनी अरुणाचल प्रदेशा कडेन संबंदीत नोंद 9 ही 8 अशी फेरअंकिकृत केली आनी अरुणाचल प्रदेशा कडेन संबंदीत नोंद 8 ही अरुणाचल प्रदेश राज्य अधिनेम, 1986 (1986चो 69वो), कलम 4 (15-4-1987 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडली.

[2] जम्मू आनी काश्मीर फेररचणूक अधिनेम, 2019 (2019चो 34वो), कलम 6 (31-10-2019 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

# दुसरी अनुसुची
# [अनुच्छेद 59(3), 65(3), 75(6), 97, 125, 148(3), 158(3), 164(5), 186 आनी 221]

## भाग क

राष्ट्रपती आनी [1]***राज्यांच्या राज्यपालां संबंदीं उपबंध.

1. राष्ट्रपतींक आनी राज्यपालांक फारीक करतले[1]*** खाला दिल्ले प्रमाणें दर म्हयन्याक अशे तरेन फारीक करचे पडटले:—

| | | |
|---|---|---|
| राष्ट्रपती | …… | 10,000 रुपया *. |
| राज्याचो राज्यपाल | …… | 5500 रुपया**. |

2. ह्या संविधानाच्या आरंभाचे निकटपूर्व डॉमिनियन ऑफ इण्डियाच्या गव्हर्नर जनरलाक आनी समनुरूप प्रांतांच्या गव्हर्नरांक प्रदेय आशिल्ले अशे भत्ते अनुक्रमान राष्ट्रपतीक आनी [2]*** राज्यांच्या राज्यपालांक दितले.

3. ह्या संविधानाच्या आरंभाच्या निकटपूर्व गव्हर्नर जनरल आनी समनुरूप प्रांतांच्या गव्हर्नर हक्कदार अशिल्ले त्याच विशेशाधिकारांक अनुक्रमान राष्ट्रपती आनी [3][राज्याचे] राज्यपाल आपआपल्या अधिकार काळांत हक्कदार आसतले.

4. जेन्ना उप-राष्ट्रपती वा हेर कोणूय व्यक्ती राष्ट्रपतीचीं कार्यां निभायता आसत वा राष्ट्रपती म्हूण कार्य करता आसत वा कोणूय व्यक्ती राज्यपालाचीं कार्यां निभायता आसत, तेन्ना ती जाचीं कार्यां निभायता आसत वा जशें आसत तशें, जाचे खातीर कार्य करता आसत तो राष्ट्रपती वा राज्यपाल जाका हक्कदार आसता तेच परिलाभ, भत्ते आनी विशेशाधिकार हांकां ती व्यक्ती हक्कदार आसतली.

[4]* * * * *

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पयले अनुसुचीच्या भाग (क)त निर्दिश्ट केल्लीं" हीं उतरां आनी अक्षर काडलें.

* वित्तीय अधिनेम, 2018 (2018चो 13वो), कलम 137 (1-11-2016 हे तारखे सावन लागू) वरवीं आतां पांच लाख रुपया केल्यात.

** कित्तो- कलम 161, (1-1-2016 हे तारखे सावन लागू) वरवीं आतां तीन लाख पन्नास हजार रुपया केल्यात.

[2] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "असो निर्दिश्ट" हीं उतरां काडल्यांत.

[3] कित्तो- कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "असलीं राज्यां" हे सुवातेर घालें.

[4] कित्तो- कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं भाग ख काडलें.

## भाग ग

### लोकसभेचे अध्यक्ष आनी उपाध्यक्ष तशेंच राज्यसभेचे सभापती आनी उप-सभापती आनी [1]***[2][राज्याचे] विधानसभेचे अध्यक्ष तशेंच उपाध्यक्ष आनी विधान परिशदेचे सभापती तशेंच उप-सभापती हांचे संबंदीत उपबंध.

7. ह्या संविधानाच्या आरंभाच्या निकटपूर्व डॉमिनियम ऑफ इण्डियाचे संविधान सभेच्या अध्यक्षाक प्रदेय अशे पगार आनी भत्ते लोकसभेच्या अध्यक्षाक आनी राज्यसभेच्या सभापतीक दितले आनी अश्या आरंभाचे निकटपूर्व डॉमिनियम ऑफ इण्डियाच्या संविधान सभेच्या उपाध्यक्षाक प्रदेय अशे पगार आनी भत्ते लोकसभेच्या उपाध्यक्षाक आनी राज्यसभेच्या उपसभापतीक दितले.

8. [3]*** [4][राज्याच्या] विधानसभेच्या अध्यक्षाक आनी उपाध्यक्षाक तशेच विधान परिशदेच्या सभापतीक आनी उप-सभापतीक अनुक्रमान ह्या संविधानाच्या आरंभाच्या निकटपूर्व समनुरूप प्रांताच्या विधानसभेच्या अध्यक्षाक आनी उपाध्यक्षाक तशेंच विधान परिशदेच्या सभापतीक आनी उप-सभापतीक प्रदेय आशिल्ले अशे पगार आनी भत्ते दितले आनी अश्या आरंभाचे निकटपूर्व जंय समनुरूप प्रांताक विधानपरिशद नाशिल्या त्या राज्याचे विधानपरिशदेच्या सभापतीक आनी उप-सभापतीक राज्याचो राज्यपाल निर्धारीत करीत अशे पगार आनी भत्ते दितले.

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पयले अनुसुचीच्या भाग (क)तलो खंयच्याय राज्याचे" हीं उतरां आनी अक्षर काडल्यांत.

[2] कित्तो- कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "असलें खंयचेंय राज्य" हे सुवातेर घालें.

[3] कित्तो- कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पयले अनुसुचीच्या भाग (क)त निर्दिश्ट केल्ल्या खंयच्याय राज्याचें" हीं उतरां आनी अक्षर काडल्यांत.

[4] कित्तो- कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "असलें राज्य" हे सुवातेर घालें.

## भाग घ

### सर्वोच्च न्यायालयाच्या आनी [1]*** उच्च न्यायालयांच्या न्यायाधिशा संबंदीं उपबंध.

9. [(1) सर्वोच्च न्यायालयाच्या न्यायाधिशाक प्रत्यक्ष सेवेंत घालयिल्ल्या काळा संबंदांत दर म्हयन्याक फुडें दिल्यात तशे पगार दितले, म्हणल्यार:—

| | | |
|---|---|---|
| मुख्य न्यायमुर्ती | ...... | [2][10,000 रुपया.].* |
| हेर कोणूय न्यायाधीश | ...... | [3][9,000 रुपया.].** |

परंतु, जर सर्वोच्च न्यायालयाच्या न्यायाधिशाक आपले नेमणुके वेळार भारत सरकार वा तांचें खंयचेय पूर्वाधिकारी सरकार वा राज्य सरकार वा तांचें खंयचेंय पूर्वाधिकार सरकार हाचे अखत्यारे खाला केल्ले खंयचेय आदले सेवे संबंदांत पॅन्शन (दिव्यांगताय वा दुखापत पॅन्शन हांचे परस वेगळें) मेळटा आसत जाल्यार, सर्वोच्च न्यायालयांतले सेवे संबंदांतलो ताचो पगार [4]—

(क) ते पॅन्शनाचे रकमेंत; आनी

(ख) जर अशे नेमणुके पयलीं ताका अशें आदले सेवे संबंदांत पॅन्शनाच्या देय आशिल्ल्या वांट्याचे सुवातेर ताचें संराशीकृत मोल ताका मेळ्ळां आसत जाल्यार पॅन्शनाच्या त्या वांट्याचे रकमेंत; आनी

(ग) जर अश नेमणुके पयलीं ताका अशें आदले सेवे संबंदांत सेवानिवृत्ती उपदान मेळ्ळां आसत ना जाल्यार त्या उपदाना इतलेंच पॅन्शनाचे रकमेंतल्यान वजा करतले.]

(2) सर्वोच्च न्यायालयाचो दर एक न्यायाधीश भाडें दिल्या बगर अधिकृत निवास स्थानाचो वापर करपाक हक्कदार आसतलो.

(3) ह्या संविधानाच्या आरंभाचे निकटपूर्व जो न्यायाधीश,—

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 25(क) (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पयले अनुसुचीच्या भाग (क)तल्या राज्यांनी" हीं उतरां आनी अक्षर काडल्यांत.

[2] संविधान (चवपनावो बदल) अधिनेम, 1986, कलम 4 (1-4-1986 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "5 हजार रुपया ते 10,000 रुपया" हे सुवातेर घालें.

* उच्च न्यायालय आनी सर्वोच्च न्यायालय हांचे न्यायाधीश (वेतन आनी सेवा शर्ती) बदल अधिनेम, 2018 (2018चो 10वो) कलम 6 (1-1-2016 हे तारखे सावन लागू) वरवीं आतां दोन लाख अंयशीं हजार रुपया केल्यात.

[3] संविधान (चवपनावो बदल) अधिनेम, 1986, कलम 4 (1-4-1986 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "4,000 रुपया" हे सुवातेर घालें.

** उच्च न्यायालय आनी सर्वोच्च न्यायालय हांचे न्यायाधीश (वेतन आनी सेवा शर्ती) बदल अधिनेम, 2018 (2018चो 10वो) कलम 6 (1-1-2016 हे तारखे सावन लागू) वरवीं आतां दोन लाख पन्नास हजार रुपया केल्यात.

[4] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 25(ख) (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "त्या पॅन्शनाचे रकमे इतले उणे करतले" हे सुवातेर घालें.

(क) फॅडरल न्यायालयाचे मुख्य न्यायमुर्ती म्हूण अधिकारपद धारण करतले आनी अश्या आरंभा उपरांत अनुच्छेद 374च्या पोटकलम (1) खाला सर्वोच्च न्यायालयाचो मुख्य न्यायमुर्ती जाला, वा

(ख) फॅडरल न्यायालयाचो हेर कोणूय न्यायाधीश म्हूण अधिकारपद धारण करतले आनी अश्या आरंभा उपरांत उक्त उप-कलमा खाला सर्वोच्च न्यायालयाचो (मुख्य न्यायमुर्ती परस वेगळो) न्यायाधीश जाला,

अश्या न्यायाधिशाक तो असो मुख्य न्यायमुर्ती वा हेर न्यायाधीश म्हूण अधिकारपद धारण करीत त्या कालावधींत ह्या परिच्छेदाचो उप-परिच्छेद (2) हातूंतली खंयचीच बाब लागू आसची ना, आनी जो अशे तरेन सर्वोच्च न्यायालयाचो मुख्य न्यायमुर्ती वा हेर न्यायाधीश जाला असो दर एक न्यायाधीश, जशें आसा तशें, असो मुख्य न्यायमुर्ती वा हेर न्यायाधीश म्हूण ताणें प्रत्यक्ष सेवेंत घालयिल्ल्या काळा संबंदांत ह्या परिच्छेदाच्या उप-परिच्छेद (1) हातूंत विनिर्दिश्ट केल्ल्या पगाराचे भरीक अशे तरेन विनिर्दिश्ट केल्लो पगार आनी अश्या आरंभाचे निकटपूर्व ताका मेळटालो तो पगार हांचे मदल्या अंतरा इतली रक्कम खाशेलें वेतन म्हूण घेवपाक हक्कदार आसतलो.

(4) सर्वोच्च न्यायालयाच्या दर एका न्यायाधिशाक राष्ट्रपती त्या-त्या वेळार विहीत करीत ते प्रमाणें भारताच्या राज्यक्षेत्रांत कामा निमितान प्रवास करतना आयिल्ल्या खर्चाची ताका प्रतिपूर्ती करपा खातीर चड भत्ते मेळटले आनी प्रशासना संबंदीं चड सोयी मेळटल्यो.

(5) सर्वोच्च न्यायालयाच्या न्यायाधिशांची गैरहजेरी रजा (रजा आनी भत्ते धरून) आनी पॅन्शन हे संबंदींच्या अधिकारांचें नियंत्रण ह्या संविधानाच्या आरंभाचे निकटपूर्व फॅडरल न्यायालयाच्या न्यायाधिशांक जे लागू आशिल्ले त्या तरतुदीं वरवीं जातले.

10. (1) [1][उच्च न्यायालयांच्या न्यायाधिशांक प्रत्यक्ष सेवेचेर खर्च केल्ल्या वेळाच्या संदर्भांत दर म्हयन्याक सकयल दिल्ले दरेन पगार दितले, जशे,—

| | | |
|---|---|---|
| मुखेल न्यायाधीश | ...... | [2][9,000 रुपया]* |
| हेर कोणूय न्यायाधीश | ...... | [3][8,000 रुपया]:** |

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 25(ग), (i) (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं उप-परिच्छेद (1) हे सुवातेर घालें.

[2] संविधान (चवपनावो बदल) अधिनेम, 1986, कलम 4 (1-4-1986 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "4,000 रुपया" हे सुवातेर घालें.

* उच्च न्यायालय आनी सर्वोच्च न्यायालय हांचे न्यायाधीश (वेतन आनी सेवा शर्ती) बदल अधिनेम, 2018 (2018चो 10वो) कलम 2 (1-1-2016 हे तारखे सावन लागू) वरवीं आतां दोन लाख पन्नास हजार रुपया केल्यात.

[3] संविधान (चवपनावो बदल) अधिनेम, 1986, कलम 4 (1-4-1986 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "3,500 रुपया" हे सुवातेर घालें.

** उच्च न्यायालय आनी सर्वोच्च न्यायालय हांचे न्यायाधीश (वेतन आनी सेवा शर्ती) बदल अधिनेम, 2018 (2018चो 10वो) कलम 2 (1-1-2016 हे तारखे सावन लागू) वरवीं आतां दोन लाख पन्नास हजार रुपया केल्यात.

ताका शर्त अशी कीं, जर उच्च न्यायालयाच्या न्यायाधिशाक आपले नेमणुके वेळार भारत सरकार वा तांचें खंयचेंय पुर्वाधिकारी सरकार वा राज्य सरकार वा ताचें खंयचेंय पुर्वाधिकारी सरकार हांचे अखत्यारे खाला केल्ले कसलेय आदले सेवे संबंदांत पॅन्शन

(दिव्यांगताय वा दुखापत पॅन्शन हांचे परस वेगळें) मेळटा आसत जाल्यार, उच्च न्यायालयांतले सेवे संबंदांतलो ताचो पगार—

(क) ते पॅन्शनाचे रकमेंत; आनी

(ख) जर अशे नेमणुके आदीं ताका अशे आदले सेवे संबंदांत पॅन्शनाच्या देय वांट्याचे सुवातेर ताचें संराशीकृत मोल ताका मेळ्ळां आसत जाल्यार, पॅन्शनाच्या त्या वांट्याचे रकमेंत, आनी

(ग) जर अशे नेमणुके आदीं ताका अशे आदले सेवे संबंदांत सेवानिवृत्ती- उपदान मेळ्ळां आसत जाल्यार, त्या उपदाना इतले पॅन्शनाचे रकमेंतल्यान वजा करतले]

(2) ह्या संविधानाच्या आरंभाचे निकटपूर्व जी व्यक्ती—

(क) खंयच्याय प्रांतांतल्या उच्च न्यायालयाचो मुख्य न्यायमुर्ती म्हूण अधिकारपद धारण करतालो आनी अश्या आरंभा उपरांत अनुच्छेद 376 च्या पोटकलम (1) खाला समनुरूप राज्यांतल्या उच्च न्यायालयाचो मुख्य न्यायमुर्ती जाला; वा

(ख) खंयच्याय प्रांतांतल्या उच्च न्यायालयाचो हेर कसलोय न्यायाधीश म्हूण अधिकारपद धारण करतालो आनी अश्या आरंभा उपरांत उक्त उप-कलमा खाला समनुरूप राज्यांतल्या उच्च न्यायालयाचो (मुख्य न्यायमुर्ती परस हेर) न्यायाधीश जाला,

अशी प्रत्येक व्यक्ती, जर तिका अश्या आरंभा पयलीं ह्या परिच्छेदाच्या उप-परिच्छेद (1) हातूंत विनिर्दिश्ट केल्ले दरे परस चड दरेन पगार मेळटालो अशें आसत जाल्यार, जशें आसा तशें, असो मुख्य न्यायमुर्ती वा हेर न्यायाधीश म्हूण प्रत्यक्ष सेवेंत घालयिल्ल्या काळा संबंदांत, उक्त उप-परिच्छेदांत विनिर्दिश्ट केल्ल्या पगाराचे भरीक, अशे तरेन विनिर्दिश्ट केल्लो पगार आनी अश्या आरंभाचे निकटपूर्व ताका मेळटालो तो पगार हांचे मदल्या अंतरा इतली रक्कम खाशेलें वेतन म्हूण मेळपाक हक्कदार आसतली.

[1][(3)'संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956 हाच्या आरंभाचे निकटपूर्व जी व्यक्ती पयले अनुसुचीचो भाग (ख) हातूंत विनिर्दिश्ट केल्ल्या राज्याच्या उच्च न्यायालयाचो मुख्य न्यायमुर्ती म्हूण अधिकारपद धारण करतली आनी अश्या आरंभा उपरांत उक्त अधिनेमा वरवीं बदल केल्ले अशे उक्त अनुसुचींत विनिर्दिश्ट केल्ल्या राज्याच्या उच्च न्यायालयाचो मुख्य न्यायमुर्ती जाल्या अशी कोणूय व्यक्ती, जर अश्या आरंभाचे निकटपूर्व तिका आपल्या पगाराचे भरीक भत्तो म्हूण कसलीय रक्कम मेळटा आसत जाल्यार, असो मुख्य न्यायमुर्ती म्हूण प्रत्यक्ष सेवेंत घालयिल्ल्या काळा संबंदांत ह्या परिच्छेदाच्या उप-परिच्छेद (1) हातूंत विनिर्दिश्ट केल्ल्या पगाराचे भरीक भत्तो म्हूण तितलीच रक्कम मेळपाक हक्कदार आसतली.]

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 25(ग), (ii) (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं उप-परिच्छेद (3) आनी (4) हे सुवातेर घालें.

11. ह्या भागांत, संदर्भाक लागून हेर तरेन गरजेचें नासत जाल्यार,—

(क) 'मुख्य न्यायमुर्ती' ह्या उतरांनी कार्यार्थ न्यायमुर्तीचो आनी 'न्यायाधीश' हातूंत तदर्थ न्यायाधिशाचो आसपाव आसा;

(ख) 'प्रत्यक्ष सेवा' हातूंत—

(i) न्यायाधिशान, न्यायाधीश म्हूण स्वताचें कर्तव्य निभावपांत वा राष्ट्रपतीचे विनंती वयल्यान जीं कार्यां निभावपाचें तो पत्करीत अशीं हेर कार्यां करूंक घालयिल्लो काळ;

(ii) दीर्घ सुटयो – न्यायाधीश जेन्ना रजेच्या निमतान गैरहाजीर आसत असो खंयचोय काळ सोडून; आनी

(iii) उच्च न्यायालयांतल्यान सर्वोच्च न्यायालयांत वा एका उच्च न्यायालयांतल्यान दुसऱ्या उच्च न्यायालयांत बदली जातकूच रुजू जावपाचो काळ, हांचो आसपाव आसा.

## भाग ङ

### भारताचो नियंत्रक आनी महालेखापरिक्षक हाचे संबंदीं उपबंध

12. (1) भारताच्या नियंत्रक आनी महालेखा परिक्षकाक दर म्हयन्याक *चार हजार रुपया दरेन पगार दिवचो पडटलो.

(2) ह्या संविधानाच्या आरंभाचे निकटपूर्व जी व्यक्ती भारताचो महालेखापरिक्षक म्हूण अधिकारपद धारण करताली आनी अश्या आरंभा उपरांत अनुच्छेद 277 खाला भारताचो नियंत्रक आनी महालेखापरिक्षक जाल्या ती व्यक्ती ह्या परिच्छेदाच्या उप-परिच्छेद (1) हातूंत विनिर्दिश्ट केल्ल्या पगाराचे भरीक, अशे तरेन विनिर्दिश्ट केल्लो पगार आनी अश्या आरंभाचे निकटपूर्व भारताचो महालेखापरिक्षक म्हूण तिका मेळटा तो पगार हातूंतल्या अंतरा इतली रक्कम खाशेलें वेतन म्हूण मेळपाक हक्कदार आसतली.

(3) भारताचो नियंत्रक आनी महालेखापरिक्षक हाचे गैरहजेरी – रजा आनी पॅन्शन हांचे संबंदींचे अधिकार आनी ताच्यो सेवा-अटी हांचें नियंत्रण ह्या संविधानाच्या आरंभाचे निकटपूर्व भारताच्या महालेखापरिक्षकाक जे लागू आशिल्ले त्या उपबंधां वरवीं जातलें वा, जशें आसा तशें, जावपाचें चालू उरतलें आनी त्या उपबंधांतल्या गव्हर्नर-जनरला संबंदींच्या सगल्या निर्देशांचो अर्थ राष्ट्रपती संबंदींचे निर्देश म्हूण लायतले.

---

* भारताचो नियंत्रक आनी महालेखापरिक्षक (कर्तव्यां, अधिकार आनी सेवा शर्ती) अधिनेम, 1971 (1971चो 56वो), कलम 3 हाचे वरवीं भारताचो नियंत्रक आनी महालेखापरिक्षक हाका सर्वोच्च न्यायालयाच्या न्यायाधिशांक दिता तितलोच पगार दितले. उच्च न्यायालया आनी सर्वोच्च न्यायालयाचे न्यायाधीश (पगार आनी सेवा शर्ती) बदल अधिनेम, 2018 (2018चो 10वो), कलम 6 (1-1-2016 हे तारखे सावन लागू) वरवीं सर्वोच्च न्यायालयाच्या न्यायाधिशांचो पगार दर म्हयन्याक दोन लाख पन्नास हजार रुपया मेरेन वाडयला.

# तिसरी अनुसुची

## [कलम 75(4), 99, 124(6), 148(2), 164(3), 188 आनी 219][*]

## सोपूत आनी दृढकथनां हांचे नमुने

### I

संघराज्याच्या मंत्र्या खातीर अधिकारपदाच्या सोपुताचो नमुनोः—

“हांव, क.ख., देवाचे साक्षीन सोपूत घेतां / गंभीरसाणीन दृढकथन करतां कीं, कायद्या वरवीं स्थापीत जालां अश्या भारताच्या संविधाना विशीं हांव खरेली श्रद्धा आनी निश्ठा बाळगितलों/लीं/लें, [1][हांव भारताची सार्वभौमताय आनी एकात्मताय उन्नत राखतलों/लीं/लें] हांव संघराज्याचो/ची/चें मंत्री म्हूण म्हजीं ‘कामां निश्ठेन आनी शुद्ध बुद्धीन निभायतलों/लीं/लें आनी संविधान आनी कायदो हांचे प्रमाणें सगल्या तरांच्या लोकांक हांव धिटायेन आनी भेदभावा बगर तशेंच कोणाचेय संबंदीं मोयपास वा दुस्वास बाळगिनासतना न्याय्य वागणूक दितलों/लीं/लें.”

### II

संघराज्याच्या मंत्र्या खातीर गुप्ततायेच्या सोपुताचो नमुनोः—

“हांव, क.ख., देवाचे साक्षीन सोपूत घेतां / गंभीरसाणीन दृढकथन करतां कीं, संघराज्याचो/ची/चें मंत्री म्हूण ह्या विचारा खातीर हाडटले वा म्हाका कळटली अशी कसलीय बाब, असो/अशी/अशें मंत्री म्हूण म्हजीं कामां यथायोग्य निभावपा खातीर गरजेचें आसत तितलें सोडल्यार, हांव कोणेय व्यक्तीक वा व्यक्तींक प्रत्यक्षपणान वा अप्रत्यक्षपणान कळोवचों/चीं/चें ना वा ताचे कडेन उक्ती करचों/चीं/चें ना.”

### [2][III

### क

संसदेचे वेंचणुकेंतल्यान उमेदवारान घेवपाच्या सोपुताचो वा करपाच्या दृढकथनाचो नमुनोः—

---

[*] अनुच्छेद 84(क) आनी 173(क) हेवूय पळोवचे.

[1] संविधान (सोळावो बदल) अधिनेम, 1963, कलम 5 (5-10-1963 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[2] कित्तो - कलम 5 (5-10-1963 हे तारखे सावन लागू) वरवीं नमुनो III हे सुवातेर घालें.

"हांव, क.ख., राज्यसभेंतली (वा लोकसभेंतली) सुवात भरपा खातीर उमेदवार म्हूण नामनिर्देशीत जाल्लों/ल्लीं/ल्लें आशिल्ल्यान देवाचे साक्षीन सोपूत घेतां/गंभीरसाणीन दृढकथन करतां कीं, कायद्या वरवीं स्थापीत जालां अश्या भारताच्या संविधाना विशीं हांव खरेली श्रद्धा आनी निश्ठा बाळगितलों/लीं/लें आनी भारताची सार्वभौमताय आनी एकात्मताय उन्नत राखतलों/लीं/लें."

## ख

संसदेच्या वांगड्यान घेवपाच्या सोपुताचो वा करपाच्या दृढकथनाचो नमुनोः—

"हांव, क.ख., राज्यसभेचो (वा लोकसभेचो) वांगडी म्हूण वेंचून आयिल्लों/ल्ली/ल्लें आशिल्ल्यान (वा नामनिर्देशित जाल्लों/ल्ली/ल्लें आशिल्ल्यान) देवाचे साक्षीन सोपूत घेतां/गंभीरसाणीन दृढकथन करतां कीं, कायद्या वरवीं स्थापीत जालां अश्या भारताच्या संविधाना विशीं हांव खरेली श्रद्धा आनी निश्ठा बाळगितलों/लीं/लें, भारताची सार्वभौमताय आनी एकात्मताय उन्नत राखतलों आनी आतां जें कर्तव्य हांव हातांत घेतलों/लीं/लें, तें निश्ठेन निभायतलों/लीं/लें."]

## IV

सर्वोच्च न्यायालयाच्या न्यायाधिशांनी आनी भारताचो नियंत्रक आनी महालेखापरिक्षक हाणें घेवपाच्या सोपुताचो वा करपाच्या दृढकथनाचो नमुनोः—

"हांव, क.ख., भारताच्या सर्वोच्च न्यायालयाचो मुख्य न्यायमुर्ती (वा न्यायाधीश) (वा भारताचो नियंत्रक आनी महालेखापरिक्षक म्हूण नियुक्त जाल्लों/लीं/लें आशिल्ल्यान, देवाचे साक्षीन सोपूत घेतां/गंभीरसाणीन दृढकथन करतां कीं, कायद्या वरवीं स्थापीत जालां अश्या भारताच्या संविधाना विशीं हांव खरेली श्रद्धा आनी निश्ठा बाळगितलों/लीं/लें, [1][हांव भारताची सार्वभौमताय आनी एकात्मताय उन्नत राखतलों/लीं/लें], हांव यथायोग्य आनी निश्ठेन आनी म्हज्या सामर्थ्यांचे, ज्ञानाचे आनी निर्णय शक्तीचे पराकाश्ठे मेरेन, धिटायेन आनी भेदभावा बगर, तशेंच कोणा विशीं मोयपास वा दुस्वास बाळगिनासतना म्हज्या अधिकार पदाचीं कामां निभायतलों/लीं/लें आनी हांव संविधान आनी कायदो उन्नत राखतलों/लीं/लें."

---

[1] संविधान (सोळावो बदल) अधिनेम, 1963, कलम 5 (5-10-1963 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

## V

राज्याच्या मंत्र्या खातीर सोपुताचो नमुनोः—

“हांव, क.ख., देवाचे साक्षीन सोपूत घेतां / गंभीरसाणीन दृढकथन करतां कीं, कायद्या वरवीं स्थापीत जालां अशी भारतीय संविधाना विशीं हांव खरेली श्रद्धा आनी निश्ठा बाळगितलों/लीं/लें, [1][हांव भारताची सार्वभौमताय आनी एकात्मताय उन्नत राखतलों/लीं/लें,] हांव ............राज्याचो/ची/चें मंत्री म्हूण म्हजीं कामां निश्ठेन आनी शुद्ध बुद्धीन निभायतलों/लीं/लें आनी संविधान तशेंच कायदो हाचे प्रमाणें सगल्या तरांच्या लोकांक हांव धिटायेन आनी भेदभावा विरयत, तशेंच कोणाचेय संबंदीं मोयपास वा दुस्वास बाळगिनासतना न्याय्य वागणूक दितलों/लीं/लें.”

## VI

राज्याच्या मंत्र्या खातीर गुप्ततायेच्या सोपुताचो नमुनोः—

“हांव, क.ख., देवाचे साक्षीन सोपूत घेतां / गंभीरसाणीन दृढकथन करतां कीं, ..........राज्याचो/ची/चें मंत्री म्हूण म्हज्या विचारा खातीर हाडटले वा म्हाका कळटली अशी कसलीय बाब, असो/अशी मंत्री म्हूण म्हजीं कामां यथायोग्य निभावपा खातीर गरजेचें आसत तें सोडून हरशीं, हांव कोणेय व्यक्तीक वा व्यक्तींक प्रत्यक्षपणान वा अप्रत्यक्षपणान कळोवचों/चीं/चें ना वा तिचे कडेन उक्ती करचों/चीं/चें ना.”

## [2][VII

### क

राज्य विधीमंडळाचे वेंचणुकेंतल्या उमेदवारान घेवपाच्या सोपुताचो वा करपाच्या दृढकथनाचो नमुनोः—

“हांव, क.ख., विधानसभेंतली (वा विधान परिशदेंतली) सुवात भरपा खातीर उमेदवार म्हूण नामनिर्देशीत जाल्लों/लीं/लें आशिल्ल्यान देवाचे साक्षीन सोपूत घेतां / गंभीरसाणीन दृढकथन करतां कीं, कायद्या वरवीं स्थापीत जालां अश्या भारताच्या संविधान विशीं हांव खरेली श्रद्धा आनी निश्ठा बाळगितलों/लीं/लें आनी भारताची सार्वभौमताय आनी एकात्मताय उन्नत राखतलों/लीं/लें.”

---

[1] संविधान (सोळावो बदल) अधिनेम, 1963, कलम 5 (5-10-1963 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[2] कित्तो - कलम 5 (5-10-1963 हे तारखे सावन लागू) वरवीं नमुनो VII हे सुवातेर घालें.

## ख

राज्य विधीमंडळाच्या वांगड्यान घेवपाच्या सोपुताचो वा करपाच्या दृढकथनाचो नमुनोः—

"हांव, क.ख., विधानसभेचो (वा विधान परिशदेचो) वांगडी म्हूण वेंचून आयलां (वा नामनिर्देशीत) आशिल्ल्यान देवाचे साक्षीन सोपूत घेतां / गंभीरसाणीन दृढकथन करतां कीं, कायद्या वरवीं स्थापीत जालां अश्या भारतीय संविधाना विशीं हांव खरेली श्रद्धा आनी निश्ठा बाळगितलों/लीं/लें, भारताची सार्वभौमताय आनी एकात्मताय उन्नत राखतलों/लीं/लें आनी आतां जें कर्तव्य हांव हातांत घेतलों/लीं/लें तें निश्ठेन निभायतलों/लीं/लें."]

## VIII

उच्च न्यायालयाच्या न्यायाधिशांनी घेवपाच्या सोपुताचो वा करपाच्या दृढकथनाचो नमुनोः-

"हांव, क.ख., ............हांगाच्या (वा हाच्या) उच्च न्यायालयाचो मुख्य न्यायमुर्ती (वा न्यायाधीश) म्हूण नियुक्त जालां आशिल्ल्यान, देवाचे साक्षीन सोपूत घेतां / गंभीरसाणीन दृढकथन करतां कीं, कायद्या वरवीं स्थापीत जालां अश्या भारताच्या संविधाना विशीं हांव खरेली श्रद्धा आनी निश्ठा बाळगितलों/लीं/लें, [1][हांव भारताची सार्वभौमताय आनी एकात्मताय उन्नत राखतलों/लीं/लें,] हांव यथायोग्य आनी निश्ठेन आनी म्हज्या सामर्थ्याचे, ज्ञानाचे आनी निर्णय शक्तीचे पराकाश्ठे मेरेन धिटायेन आनी भेदभावा विरयत, तशेंच कोणाचेच विशीं मोयपास वा दुस्वास बाळगिनासतना म्हज्या अधिकार पदाचीं कामां निभायतलों/लीं/लें आनी हांव संविधान आनी कायदो उन्नत राखतलों/लीं/लें.'

---

[1] संविधान (सोळावो बदल) अधिनेम, 1963, कलम 5 (5-10-1963 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

# [1][चवथी अनुसुची
# [अनुच्छेद 4(1) आनी 80(2)]

## राज्यसभेंतल्या सुवातांची वांटणी

फुडल्या तकट्याच्या पयल्या स्तंभांत विनिर्दिश्ट केल्ल्या दर एका राज्याक वा केंद्रशासीत प्रदेशाक तकट्याच्या दुसऱ्या स्तंभांत, त्या राज्या मुखार वा जशें आसत तशें, त्या केंद्रशासीत प्रदेशा मुखार विनिर्दिश्ट केल्ल्यो सुवातो नेमून दितलेः

### तकटो

| | | |
|---|---|---|
| 1. | आंध्र प्रदेश........................................................ | [2][11] |
| [3][2. | तेलंगण................................................................ | 7] |
| [4][3.] | आसाम. ............................................................... | 7 |
| [4][4.] | बिहार .................................................................. | [5][16] |
| [6][[4][5.] | झारखण्ड ............................................................ | 6] |
| [7][[8][[4][6.] | गोंय ..................................................................... | 1]] |
| [9][[8][[4][7.] | गुजरात ................................................................ | 11]] |
| [10][[8][[4][8.] | हरयाणा ................................................................ | 5]] |
| [8][[4][9.] | केरळ ..................................................................... | 9 |

---

[1] 'चवथी अनुसुची'हे सुवातेर संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 3(2), (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं चवथी अनुसुची घालें.

[2] आंध्र प्रदेश फेररचणूक अधिनेम, 2014, कलम 12 (2-6-2014 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "18" हे सुवातेर घालें.

[3] कित्तो - कलम 12, (2-6-2014 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[4] कित्तो - कलम 12 (2-6-2014 हे तारखे सावन लागू) वरवीं 2 ते 30 ह्यो क्रमनोंदी, अनुक्रमान 3 ते 31 अश्यो क्रमनोंदी म्हूण फेरअंकीकृत केल्यो.

[5] बिहार फेररचणूक अधिनेम, 2000 (2000चो 30वो) कलम 7 (15-11-2000 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "22" हे सुवातेर घालें.

[6] कित्तो - कलम 7 (15-11-2000 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[7] गोंय, दमण आनी दीव फेररचणूक अधिनेम, 1987 (1987चो 18वो), कलम 6(क) आनी (ख) (30-5-1987 हे तारखे सावन लागू) वरवीं 4 ते 26 ह्यो क्रमनोंदी अनुक्रमान 5 ते 27 अश्यो फेरअंकीकृत केल्यात आनी "4 गोंय....1" ही क्रमनोंद निविश्ट केल्या.

[8] बिहार फेररचणूक अधिनेम, 2000 (2000चो 30वो), कलम 7 (15-11-2000 हे तारखे सावन लागू) वरवीं 4 ते 29 ह्यो क्रमनोंदी 5 ते 30 अश्यो फेरअंकीकृत केल्यो.

[9] बॉम्बे फेररचणूक अधिनेम, 1960 (1960चो 11वो), कलम 6 (1-5-1960 हे तारखे सावन लागू) वरवीं क्रमनोंद 4 हे सुवातेर घालें.

[10] पंजाब फेररचणूक अधिनेम, 1966 (1966चो 31वो), कलम 9 (1-11-1966 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

(चवथी अनुसुची)

| | | |
|---|---|---|
| [1][[2][10.]] | मध्यप्रदेश ........................................................... | [3][11] |
| [4][[1][[2][11.] | छत्तीसगड............................................................. | 5] |
| [5][[1][[2][12.] | तामिलनाड. ......................................................... | [6][18] |
| [7][[1][[2][13.] | महाराष्ट्र................................................................. | 19]] |
| [8][[1][[2][14.] | कर्नाटक.................................................................. | 12] |
| [1][[2][15.][9] | [ओडिशा]............................................................ | 10] |
| [1][[2][16.] | पंजाब. .............................................................. | [10][7 |
| [1][[2][17.] | राजस्थान ............................................................ | 10 |
| [1][[2][18.] | उत्तर प्रदेश. ......................................................... | [11][31 |
| [12][[1][[2][19.] | [13][उत्तराखण्ड]........................................................ | 3]] |
| [1][[2][20.] | पश्चीम बंगाल ....................................................... | 16] |
| [14][[1][[2][** | * * *.................................................................. | *] |
| [15][[16][[1][[2][21.] | नागालॅण्ड ............................................................... | 1] |

[1] बिहार फेररचणूक अधिनेम, 2000 (2000चो 30वो), कलम 7 (15-11-2000 हे तारखे सावन लागू) वरवीं 4 ते 29 ह्यो क्रमनोंदी 5 ते 30 अश्यो फेरअंकीकृत केल्यो.

[2] आंध्र प्रदेश फेररचणूक अधिनेम, 2014, कलम 12 (2-6-2014 हे तारखे सावन लागू) वरवीं 2 ते 30 ह्यो क्रमनोंदी अनुक्रमान 3 ते 31 अश्यो फेरअंकीकृत केल्यो.

[3] मध्य प्रदेश फेररचणूक अधिनेम, 2000 (2000चो 28वो) कलम 7 (1-11-2000 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "16" हे सुवातेर घालें.

[4] कित्तो - कलम 7 (1-11-2000 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[5] मद्रास राज्य (नांवांत फेरबदल) अधिनेम, 1968 (1968 चो 53वो), कलम 5 (14-1-1969 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "8. मद्रास" हे सुवातेर (*11 असो फेरअंकीकृत केला) घालें.

[6] आंध्र प्रदेश आनी मद्रास (शिमांनी फेरबदल) अधिनेम, 1959 (1959चो 56वो) कलम 8 (1-4-1960 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "17" हे सुवातेर घालें.

[7] बॉम्बे फेररचणूक अधिनेम, 1960 (1960चो 11वो) कलम 6 (1-5-1960 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[8] म्हैसूर स्टेट (नांवांत फेरबदल) अधिनेम, 1973 (1973चो 31वो) कलम 5 (1-11-1973 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "10. म्हैसूर" हे सुवातेर घालें.

[9] ओरिसा (नांवांत फेरबदल) अधिनेम, 2011 (2011चो 15वो) कलम 7 (1-11-2011 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "ओडिसा" हे सुवातेर घालें.

[10] पंजाब फेररचणूक अधिनेम, 1966 (1966चो 31वो) कलम 9 (1-11-1966 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "11" हे सुवातेर घालें.

[11] उत्तर प्रदेश फेररचणूक अधिनेम, 2000 (2000चो 29वो) कलम 7 (9-11-2000 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "34" हे सुवातेर घालें.

[12] कित्तो - कलम 7 (9-11-2000 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[13] उत्तरांचल (नांवांत फेरबदल) अधिनेम, 2006 (2006चो 52वो) कलम 5 (1-1-2007 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "उत्तरांचल" हे सुवातेर घालें.

[14] ** जम्मू आनी काश्मीर फेररचणूक अधिनेम, 2019 (2019चो 34वो) कलम 8 (31-10-2019 हे तारखे सावन लागू) वरवीं जम्मू आनी काश्मीर हांचे कडेन संबंदीत क्रमनोंद 21 वगळायलें.

[15] जम्मू आनी काश्मीर फेररचणूक अधिनेम, 2019 (2019चो 34वो) कलम 8 (31-10-2019 हे तारखे सावन लागू) वरवीं 22 ते 31 ह्यो क्रमनोंदी क्रमान 21 ते 30 अश्यो फेरअंकीकृत केल्यो.

[16] नागालॅण्ड राज्य अधिनेम, 1962 (1962चो 27वो) कलम 6 (1-12-1963 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

(चवथी अनुसुची)

| | | |
|---|---|---|
| [1][[2][[3][[4][22.] | हिमाचल प्रदेश...................................................... | 3]] |
| [3][[2][[4][23.] | मणिपूर................................................................. | 1 |
| [3][[2][[4][24.] | त्रिपुरा.................................................................... | 1]] |
| [3][[2][[4][25.] | मेघालया................................................................ | 1]] |
| [5][[3][[2][[4][26.] | सिक्कीम................................................................ | 1]] |
| [6][[3][[2][[4][27.] | मिझोराम.............................................................. | 1]] |
| [7][[3][[2][[4][28.] | अरुणाचल प्रदेश......................................... | 1]] |
| [3][[2][[4][29.] | दिल्ली ................................................................. | 3] |
| [3][[2][[4][30.] | [8][पुडुचेरी] ............................................................ | 1]] |
| [9][[3][[2][[4][31. | जम्मू आनी काश्मीर.................................................. | 4] |
| | वट्ट | [10][233] |

[1] हिमाचल प्रदेश राज्य अधिनेम, 1970 (1970चो 53वो) कलम 5 (25-1-1971 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[2] बिहार फेररचणूक अधिनेम, 2000 (2000चो 30वो) कलम 7 (15-11-2000 हे तारखे सावन लागू) वरवीं क्रमनोंदी 4 ते 29 ह्यो 5 ते 30 अश्यो फेरअंकीकृत केल्यो.

[3] आंध्र प्रदेश फेररचणूक अधिनेम, 2014 (2014चो 6वो) कलम 12 (2-6-2014 हे तारखे सावन लागू) वरवीं क्रमनोंदी 2 ते 30 ह्यो अनुक्रमान 3 ते 31 अश्यो फेरअंकीकृत केल्यो.

[4] जम्मू आनी काश्मीर फेररचणूक अधिनेम, 2019 (2019चो 34वो) कलम 8 (31-10-2019 हे तारखे सावन लागू) वरवीं क्रमनोंदी 22 ते 31 ह्यो अनुक्रमान 21 ते 30 अश्यो फेरअंकीकृत केल्यो.

[5] संविधान (छत्तिसावो बदल) अधिनेम, 1975, कलम 4 (26-4-1975 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[6] मिझोराम राज्य अधिनेम, 1986 (1986चो 34वो) कलम 5 (20-2-1987 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[7] अरुणाचल प्रदेश राज्य अधिनेम, 1986 (1986चो 69वो) कलम 5 (20-2-1987 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[8] पॉण्डिचेरी (नांवांत फेरबदल) अधिनेम, 2006 (2006चो 44वो) कलम 4 (1-10-2006 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "पॉण्डिचेरी" हे सुवातेर घालें.

[9] जम्मू आनी काश्मीर फेररचणूक अधिनेम, 2019 (2019चो 34वो) कलम 8 (31-10-2019 हे तारखे सावन लागू) निविश्ट केलें.

[10] गोंय, दमण आनी दीव फेररचणूक अधिनेम, 1987 (1987चो 18वो) कलम 6 (30-5-1987 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "232" हे सुवातेर घालें.

# पांचवी अनुसुची

## [अनुच्छेद 244(1)]

### अनुसुचीत क्षेत्रां आनी अनुसुचीत जमाती हांचें प्रशासन आनी नियंत्रण हांचे संबंदीं उपबंध.

## भाग क

सर्वसादारण

**1. अर्थावणी.**—हें अनुसुचींत, संदर्भाक लागून हेर तरेन गरजेचें नासत जाल्यार, 'राज्य'ह्या उतरांत[1]***[2][ आसाम आनी [3][ [4][मेघालय ह्या राज्यांचो] आसपाव ना.

**2. अनुसुचीत क्षेत्रांत राज्याचो शासनाधिकार.**—हे अनुसुचीचे उपबंधांचे अधीनतायेन, राज्याचो शासनाधिकार तातूंतल्या अनुसुचीत क्षेत्रांचेर व्याप्त आसा.

**3. अनुसुचीत क्षेत्रांच्या प्रशासना विशीं राज्यपाला कडल्यान[5]*** राष्ट्रपतीक अहवाल.**—अनुसुचीत क्षेत्रां आशिल्ल्या दर एका राज्याचो राज्यपाल[5]***दर वर्साचे अखेरेक, वा राष्ट्रपती तशें गरजेचें करीत तेन्ना, त्या राज्यांतल्या अनुसुचीत क्षेत्रांच्या प्रशासना विशीं राष्ट्रपतीक अहवाल दितलो आनी उक्त क्षेत्रांच्या प्रशासना संबंदीं राज्याक निदेश दिवप हें संघराज्याच्या शासनाधिकाराचे व्याप्तेंत येतलें.

## भाग ख

अनुसुचीत वाठार आनी अनुसुचीत जमाती हांचें प्रशासन आनी नियंत्रण

**4. जमाती सल्लागार मंडळ.**—(1) अनुसुचीत वाठार आशिल्ल्या दर एका राज्यांत आनी राष्ट्रपतीन तशें निदेशीत केल्यार, अनुसुचीत जमाती आशिल्ल्या पूण अनुसुचीत वाठार नाशिल्ल्या खंयच्याय राज्यांत विसां परस चड नात इतले वांगडी मेळून घडिल्लें एक जमाती सल्लागार मंडळ आसतलें आनी तातूंतले जाता ते परीं लागीं लागीं तीन-चतुर्थांश वांगडी अनुसुचीत जमातींचे त्या राज्याचे विधानसभेंतले प्रतिनिधी आसतले:

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं " म्हणचे पयले अनुसुचीच्या भाग क वा भाग ख त निर्दिश्ट केल्लें खंयचेंय राज्य पूण" हीं उतरां आनी अक्षरां काडल्यांत.

[2] उत्तर-पुर्वोत्तर वाठार (फेररचणूक) अधिनेम, 1971 (1971चो 81वो) कलम 71 (21-1-1972 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "आसाम राज्य" हे सुवातेर घालें.

[3] संविधान (एकूण पन्नासावो बदल) अधिनेम, 1984, कलम 3 (1-4-1985 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "आनी मेघालय" हे सुवातेर घालें.

[4] मिझोराम राज्य अधिनेम, 1986 (1986चो 34वो), कलम 39 (20-2-1987 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "मेघालय आनी त्रिपुरा" हे सुवातेर घालें.

[5] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "वा राजप्रमूख" हीं उतरां काडलीं.

ताका शर्त अशी कीं, जर अनुसुचीत जमातींच्या प्रतिनिधींची राज्याचे विधानसभेंतली संख्या ही, जमाती सल्लागार मंडळांत अशा प्रतिनिधींनी भरपाच्या सुवातांचे संख्ये परस उणी आसत जाल्यार, उरिल्ल्यो सुवातो त्या जमातींच्या हेर वांगड्यांक आसपावन भरतले.

(2) राज्यपाला कडल्यान [1]***जमाती सल्लागार मंडळा कडेन विचारार्थ धाडिल्ल्या अशा, राज्यांतल्या अनुसुचीत जमातींचें कल्याण आनी उन्नती हांचे संबंदींच्या बाबींचेर सल्लो दिवप हें ताचें कर्तव्य आसतलें.

(3) राज्यपालाच्यान [2]***—

(क) मंडळाच्या वांगड्यांची संख्या, तांचे नेमणुकेची आनी मंडळाचो अध्यक्ष आनी ताचे अधिकारी तशेंच कर्मचारी हांचे नेमणुकेची पद्धत;

(ख) तांच्या बसकांचें चालन आनी ताची सर्वसादारण कार्यपद्धत; आनी

(ग) हेर सगल्यो अनुशंगीक बाबी,

विहीत वा विनेमीत करपा खातीर, जशें आसत तशें, नेम करूं येतात.

**5. अनुसुचीत वाठारांक लागू आसपी कायदो.**—(1) ह्या संविधानांत कितेंय आसलें तरी, राज्यपालाच्यान [1]***जाहीर अधिसुचोवणे वरवीं अशें निदेशीत करूं येता कीं, संसदेचो वा राज्याच्या विधीमंडळाचो एखादो विशिश्ट अधिनेम त्या राज्यांतल्या खंयच्याय अनुसुचीत वाठाराक वा ताच्या खंयच्याय भागाक लागू जावचो ना. वा ते अधिसुचोवणेंत तो विनिर्दिश्ट करीत अशा आडवादां सयत आनी फेरबदलां सयत त्या राज्यांतल्या खंयच्याय अनुसुचीत क्षेत्राक वा ताच्या खंयच्याय भागाक लागू आसतलो आनी ह्या उप-परिच्छेदा खाला दिल्लो कसलोय निदेश पूर्वलक्षी प्रभावा सयत दिवं येता.

(2) राज्यपालाच्यान [1]***त्या राज्यांतलें थोड्या काळापुरतो जो अनुसुचीत वाठार आसतलो अशा खंयच्याय वाठारांत शांतताय आनी बऱ्या शासना पासत विनेम करूं येतात.

खासा करून आनी पुर्वगामी अधिकाराचे व्याप्तेक बाधा येनासतना, अशा विनेमां वरवीं—

(क) अशा वाठारांतल्या अनुसुचीत जमातींच्या वांगड्यां मदीं जमनीचें हस्तांतरणाचेर बंदी वा निर्बंध घालूं येता;

(ख) अशा क्षेत्रांतल्या अनुसुचीत जमातींच्या व्यक्तींक वांटपाचे जमनीची वांटणी विनेमीत करूं येता;

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "वा राजप्रमूख, जशें आसत तशें" हीं उतरां काडलीं.

[2] कित्तो - कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "वा राजप्रमूख" हीं उतरां काडलीं.

(ग) अशा क्षेत्रांतल्या अनुसुचीत जमातींच्या व्यक्तींक ज्यो व्यक्ती दुडू रिणाक दितात तांचें सावकार म्हूण धंदो चलोवपा विशीं विनेमन करूं येता.

(3) ह्या परिच्छेदाच्या उप-परिच्छेद (2) हातूंत निर्दिश्ट केल्लो असो कसलोय विनेम करतना, राज्यपालाच्यान [1]*** संबंदीत वाठाराक थोड्या काळा खातीर लागू आसत असो संसदेचो वा राज्याच्या विधीमंडळाचो खंयचोय अधिनेम वा असो कसलोय विद्यमान आशिल्लो कायदो निरासीत करूं येता वा बदलूं येता.

(4) ह्या परिच्छेदा खाला केल्ले सगले विनेम तत्काळ राष्ट्रपतीक सादर करतले आनी ताणे तांकां अनुमती दीत मेरेन, ते कशेच लागू जावचे नात.

(5) विनेम करपी राज्यपालान, राज्या खातीर जमाती सल्लागार मंडळ आसत ते बाबतींत, [1]***अशा मंडळाचो सल्लो घेतिल्लो आसल्या बगर, ह्या परिच्छेदा खाला कसलोच विनेम करूं नजो.

## भाग ग

### अनुसुचीत वाठार

**6. अनुसुचीत वाठार.**—(1) ह्या संविधानांत, "अनुसुचीत वाठार" ह्या उतरांचो अर्थ, राष्ट्रपती एका आदेशा वरवीं अनुसुचीत वाठार म्हूण घोशीत करता असो वाठार, असो आसा.

(2) राष्ट्रपतीच्यान खंयच्याय वेळार [**]आदेशा वरवीं—

(क) संपूर्ण अनुसुचीत वाठार वा ताचो खंयचोय विनिर्दिश्ट भाग हो अनुसुचीत वाठार वा अशा वाठाराचो भाग आसपाचें समाप्त जातलें अशें निदेशीत करूं येता;

[2][(कक) खंयच्याय राज्यांतल्या खंयच्याय अनुसुचीत वाठाराचो विस्तार त्या राज्याच्या राज्यपालाचो विचार घेवन वाडोवं येता;]

(ख) खंयच्याय अनुसुचीत वाठारांत फेरबदल करप – पूण फकत शिमो समा करपाच्या रुपान करूं येता;

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "वा राजप्रमूख" हीं उतरां काडलीं.

कित्तो -कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "वा राजप्रमूख" हीं उतरां काडलीं.

[*] अनुसुचीत वाठार (भाग क राज्यां) आदेश, 1950 (C.O. 9), अनुसुचीत वाठार (भाग ख राज्यां) आदेश, 1950 (C.O. 26), अनुसुचीत वाठार (हिमाचल प्रदेश) आदार, 1975 (C.O. 102) आनी अनुसुचीत वाठार (बिहार, गुजरात, मध्यप्रदेश आनी ओरिसा) आदेश, 1977 (C.O. 109) पळोवचे.

[**] मद्रास अनुसुचीत वाठार (कूळ समाप्ती) आदेश, 1950 (C.O. 30) आनी आंध्र प्रदेश अनुसुचीत वाठार (कूळ समाप्ती) आदेश, 1955 (C.O. 50) पळोवचे.

[2] संविधान पांचवे अनुसुची (बदल) अधिनेम, 1976 (1976चो 101वो), कलम 2 (7-9-1976 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

(ग) राज्यांच्या शिमांनी कसलोय फेरबदल जातकूच वा नव्या राज्याक संघराज्यांत प्रवेश दितकूच वा ताची स्थापना जातकूच, खंयच्याय राज्यांत आदीं आसपावीत नाशिल्लो खंयचोय वाठार अनुसुचीत वाठार आसा वा ताचो भाग जावपाचो आसा अशें घोशीत करूं येता;

[1][(घ) ह्या परिच्छेदा वरवीं खंयच्याय राज्याच्या वा राज्यांच्या संबंदांत दिल्लो वा दिल्ले आदेश विखंडीत करूं येता/ येतात, आनी संबंदीत राज्याच्या राज्यपालाचो विचार घेवन, जे वाठार अनुसुचीत वाठार जावपाचे आसात ते नवे आदेश दिवन नव्यान निश्चीत करूं येतात;]

आनी अश्या खंयच्याय आदेशांत राष्ट्रपतीक गरजेच्यो आनी उचीत दिसतीत अश्यो अनुशंगीक आनी परिणामी उपबंध आसपावीत आसूं येतात, पूण पुर्वोक्ता भशेन आसत ते सोडून ह्या परिच्छेदाच्या उप-परिच्छेद (1) खाला दिल्ल्या कसल्याच आदेशांत उपरांतच्या खंयच्याय आदेशां वरवीं फरक करचे नात.

## भाग घ

### अनुसुचींत बदल

**7. अनुसुचींत बदल.**—(1) संसदेच्यान त्या-त्या वेळार हे अनुसुचींत आशिल्ल्यांतले कसले उपबंध कायद्यान भर घालून, विभिन्नीकरण करून वा निरसन करून ते वरवीं बदलूं येतात, आनी, जेन्ना ही अनुसुची हे प्रमाणें बदलतली तेन्ना, हे अनुसुची संबंदीं ह्या संविधानांत आशिल्ल्या खंयच्याच निर्देशाचो अर्थ, हे प्रमाणें बदल जाल्ले अशे अनुसुची संबंदींचो निर्देश असो लायतले.

(2) ह्या परिच्छेदाच्या उप-परिच्छेद (1)त उल्लेखिल्लो असो कसलोच कायदो हो अनुच्छेद 368च्या प्रयोजना खातीर ह्या संविधानाचो बदल आसा अशें मानचे नात.

---

[1] संविधान (बदल) अधिनेम, 1976 (1976चो 101वो), कलम 2 (7-9-1976 हे तारखे सावन लागू) वरवीं जोडिल्ले पांचवे अनुसुची निविश्ट केलें.

# सवी अनुसुची

## [अनुच्छेद 244(2) आनी 275(1)]

### [1][आसाम, मेघालय, त्रिपुरा आनी मिझोराम ह्या राज्यांनी] आदिवासी वाठारांच्या प्रशासना विशीं उपबंध.

[2]**1. स्वायत्त जिल्ले आनी स्वायत्त प्रदेश.**—(1) ह्या परिच्छेदाच्या उपबंधांचे अधीनतायेन, हे अनुसुचीच्या परिच्छेद 20 क जोडिल्ल्या तकट्याच्या [3][[4][भाग I, II आनी IIक]च्या दर एका तकट्यांतले आनी भाग IIIतले] आदिवासी वाठार स्वायत्त जिल्ले आसतले.

(2) जर खंयच्याय स्वायत्त जिल्ल्यांत वेगळ्यो वेगळ्यो अनुसुचीत जमाती आसत जाल्यार, राज्यपालाच्यान भौशीक अधिसुचोवणे वरवीं त्यो जमाती रावतात तो वाठार स्वायत्त प्रदेशांनी विभाजीत करूं येता.

(3) राज्यपालाच्यान जाहीर अधिसुचोवणे वरवीं,—

(क) उक्त तकट्यांतल्या [3][खंयच्याय भागांत] खंयचोय वाठार आसपावीत करूं येता;

(ख) उक्त तकट्यांतल्या [3][खंयच्याय भागांतल्यान] खंयचोय वाठार कडेक काडूं येता;

(ग) नवो स्वायत्त जिल्लो निर्माण करूं येता;

(घ) खंयच्याय स्वायत्त जिल्ल्याचो वाठार वाडोवं येता;

(ङ) खंयच्याय स्वायत्त जिल्ल्याचो वाठार उणो करूं येता;

(च) दोन वा चड स्वायत्त जिल्ले वा तांचे भाग एकठांय हाडून एक स्वायत्त जिल्लो निर्माण करूं येता;

[5][(चच) खंयच्याय स्वायत्त जिल्ल्याच्या नांवांत फेरबदल करूं येता];

(छ) खंयच्याय स्वायत्त जिल्ल्याच्यो शिमो निश्चीत करूं येतात:

---

[1] कांय विशिश्ट उतरांचे सुवातेर, मिझोराम राज्य अधिनेम, 1986 (1986चो 34वो), कलम 39 (20-2-1987 हे तारखे सावन लागू) वरवीं घालें.

[2] संविधान (बदल) अधिनेम, 2003 (2003चो 44वो), कलम 2 (7-9-2003 हे तारखे सावन लागू) वरवीं आसाम राज्याक लागू करतना, परिच्छेद 1त जोडिल्ले सवे अनुसुची वरवीं उप-परिच्छेद (2) उपरांत मुखार दिल्लें ताका शर्त अशी कीं, निविश्ट करूंक बदल केला, जें ताका शर्त अशी कीं अशें आसा:-

"ताका शर्त अशी कीं, बोडोलॅण्ड राज्यक्षेत्रीय वाठार जिल्लो हाका ह्या उप-परिच्छेदांतलें लागू जावचें ना".

[3] पुर्वोत्तर वाठार (फेररचणूक) अधिनेम, 1971 (1971चो 81वो), कलम 71 (i) आनी आठवी अनुसुची (21-1-1972 हे तारखे सावन लागू) हांचे वरवीं "भाग क" हाचे सुवातेर घालें.

[4] संविधान (एकुणपन्नासावो बदल) अधिनेम, 1984, कलम 4 (1-4-1985 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "भाग I आनी II" हांचे सुवातेर घालें.

[5] आसाम फेररचणूक (मेघालय) अधिनेम, 1969 (1969चो 55वो), कलम 74 आनी चवथी अनुसुची (2-4-1970 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

ताका शर्त अशी कीं, राज्यपाल ह्या उप-परिच्छेदाच्या पोटकलम (ग), (घ), (ङ), आनी (च) खाला दिवपाचो कसलोच आदेश हे अनुसुचीच्या 14व्या परिच्छेदाचो उप-परिच्छेद (1) खाला नियुक्त जाल्ल्या आयोगाचो अहवाल विचारांत घेतल्या बगर दिवचो ना:

[1][ताका शर्त आनीक अशी कीं, ह्या उप-परिच्छेदा खाला राज्यपालान दिल्ल्या कसल्याय आदेशांत राज्यपालाक त्या आदेशाचे उपबंध कार्यान्वीत करपा खातीर गरज आसाशे दिसतीत अशे अनुशंगीक आनी परिणामी उपबंध (परिच्छेद 20चे वा उक्त तकट्यांत आशिल्ल्यां मदल्या खंयच्याय भागांतलेः— खंयचेय बाबींत बदल हांचे सयत) आसपावीत आसूं येतात.]

[2]**2. जिल्लो परिशदो आनी प्रादेशीक परिशदो हांची घडण.**—[3][(1) दर एका स्वायत्त जिल्ल्या खातीर तिसां परस चड न्हय इतले वांगडी मेळून जाल्ली एकेक जिल्लो परिशद आसतली. तातूंतले चडांत चड चार वांगडी राज्यपाला कडल्यान नामनिर्देशीत जातले आनी बाकीचे वांगडी प्रौढ मताधिकार तत्वांचेर वेंचून दितले.]

---

[1] पुर्वोत्तर वाठार (फेररचणूक) अधिनेम, 1971 (1971चो 81वो), कलम 71 (i) आनी आठवी अनुसुची (21-1-1972 हे तारखे सावन लागू) हांचे वरवीं घालें.

[2] संविधान (बदल) अधिनेम, 2003 (2003 चो 44वो), कलम 2 वरवीं आसाम राज्याक लागू करतना, परिच्छेद 2 त जोडिल्ले सवे अनुसुची वरवीं उप-परिच्छेद (1) उपरांत मुखार दिल्लें ताका शर्त अशी कीं निविश्ट करूंक बदल केला, जें ताका शर्त अशी कीं अशें आसा:-

"ताका शर्त अशी कीं, बोडोलॅण्ड राज्यक्षेत्रीय परिशदेंत शेचाळिसां परस चड न्हय इतले वांगडी आसचे, जातूंतले चाळीस प्रौढ मताधिकाराच्या अधिकारान वेंचिल्ले आसचे, जांचे भितरले तीस हे अनुसुचीत जमातीं पासत राखीव, पांच गैर-अनुसुचीत जमातीं खातीर, पांच सगल्या समुदायांक उकते, आनी उरिल्ले स हे राज्यपालान, बोडोलॅण्ड राज्यक्षेत्रीय वाठार जिल्ल्यांतल्या प्रतिनिधित्व मेळूंक नाशिल्ल्या समुदायांतले, जातूंत उण्यांत उण्यो दोन तरी बायलो आसतल्यो, नामनिर्देशीत केल्ले आसतले, जांकां मताधिकारा सयत हेर वांगड्यांक आशिल्ले तेच अधिकार आनी विशेशाधिकार आसतले:"

आसाम राज्याक लागू करतना, परिच्छेद 2 त संविधान (बदल) अधिनेम, 1995 (1995चो 42वो), कलम 2 वरवीं जोडिल्ले सवे अनुसुची वरवीं उप-परिच्छेद (3) उपरांत मुखार दिल्लें ताका शर्त अशी कीं, निविश्ट करूंक बदल केला, जें ताका शर्त अशी कीं:-

"ताका शर्त अशी कीं, उत्तर काछार पर्वती जिल्लो हाचे खातीर घडयिल्ले जिल्लो परिशदेक उत्तर काछार पर्वती स्वायत्त परिशद अशे म्हणटले आनी कार्बी आंगलाँग जिल्ल्या खातीर घडयिल्ले कार्बी आंगलाँग स्वायत्त परिशद म्हणटले."

आसाम राज्याक लागू करतना, परिच्छेद 2 त संविधान (बदल) अधिनेम, 2003 (2003 चो 44वो), कलम 2 वरवीं जोडिल्ले सवे अनुसुची वरवीं उप-परिच्छेद (3) उपरांत मुखार दिल्लें ताका शर्त अशी कींक निविश्ट करूंक बदल केला, जें ताका शर्त अशी कीं अशें आसा:-

"ताका आनीक शर्त अशी कीं, बोडोलॅण्ड राज्यक्षेत्रीय वाठार जिल्ल्या खातीर घडयिल्ले जिल्लो परिशदेक बोडोलॅण्ड राज्यक्षेत्रीय परिशद म्हणटले."

[3] आसाम फेररचणूक (मेघालय) अधिनेम, 1969 (1969चो 55वो), कलम 74 आनी चवथी अनुसुची (2-4-1970 हे तारखे सावन लागू) वरवीं उप-परिच्छेद (1) हे सुवातेर घालें.

(2) हे अनुसुचीच्या परिच्छेद 1च्या उप-परिच्छेद (2) खाला स्वायत्त प्रदेश म्हूण घडीत जाल्ल्या दर एका क्षेत्रा खातीर एकेक वेगळी प्रादेशीक परिशद आसतली.

(3) दर एक जिल्लो परिशद आनी दर एक प्रादेशीक परिशद अनुक्रमान '(जिल्ल्याचें नांव) जिल्लो परिशद' आनी "(प्रदेशाचें नांव) प्रादेशीक परिशद" ह्या नांवाची समुदीक संस्था आसतली. तिका निरंतर उत्तराधिकारिता आनी सामाईक म्होर आसतली आनी उक्त नांवान ती दावो लायतली आनी तिचेर दावो लायतले.

(4) हे अनुसुचीच्या उपबंधांचे अधीनतायेन स्वायत्त जिल्ल्या संबंदींचो प्रशासनाधिकार, जितले मेरेन तो हे अनुसुची खाला आनी अशा जिल्ल्यांतले खंयचेय प्रादेशीक परिशदे ठांय निहीत जाल्लो ना तितले मेरेन, अशे जिल्लो परिशदेचे ठांय निहीत जातलो आनी स्वायत्त प्रदेशा संबंदींचो प्रशासनाधिकार अशा प्रदेशाचे प्रादेशीक परिशदेचे ठांय निहीत जातलो.

(5) प्रादेशीक परिशदो आशिल्ल्या खंयच्याय स्वायत्त जिल्ल्यांत, प्रादेशीक परिशदेचे हुकमती खालच्या वाठारां संबंदीं जिल्लो परिशदेक, हे अनुसुची वरवीं तिका अशा वाठारां संबंदीं प्रदान केल्ल्या अधिकारां भायर प्रादेशीक परिशदेन तिका प्रत्यायोजीत केल्ले अशे अधिकार आसतले.

(6) राज्यपाल, संबंदीत स्वायत्त जिल्ल्यांनी वा प्रदेशांनी विद्यमान आशिल्लीं जमाती-मंडळां वा हेर प्रातिनिधीक जमाती संघटणा हांचे मसलतीन पयलीं जिल्लो परिशदो आनी प्रादेशीक परिशदो घडीत करपा खातीर नेम करतलो आनी अशा नेमां भितर फुडल्या बाबीं खातीर उपबंध करतलो—

(क) जिल्लो परिशदो आनी प्रादेशीक परिशदो हांची घडण आनी तातूंतल्या सुवातांची वांटणी;

(ख) त्या परिशदांच्या वेंचणुकां खातीर राज्यक्षेत्री मतदारसंघांचें परिसीमन;

(ग) अश्या वेंचणुकांतल्या मतदाना खातीर लागपी पात्रताय आनी ते खातीर मतदार वळेऱ्यो तयार करप;

(घ) अश्या परिशदांचे वांगडी म्हूण अश्या वेंचणुकांनी वेंचून येवपा खातीर लागपी पात्रताय;

(ङ) [1][प्रादेशीक परिशदांच्या] वांगड्यांचो अधिकारपदाचो कालावधी;

[1] आसाम फेररचणूक (मेघालय) अधिनेम, 1969 (1969 चो 55वो), कलम 74 आनी चवथी अनुसुची (2-4-1970 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "असल्यो परिशदो" हे सुवातेर घालें.

(च) अश्या परिशदांच्या वेंचणुकांच्या वा नामनिर्देशनांच्या संबंदांतली वा ताचे कडेन निगडीत आशिल्ली हेर कसलीय बाब;

(छ) जिल्लो आनी प्रादेशीक परिशदां मदली कार्यपद्धत आनी कामकाजाचें चालन [1][(खंयचीय सुवात रिती आसली तरी कार्य करपाचो अधिकार धरून)];

(ज) जिल्लो आनी प्रादेशीक परिशदांच्या अधिकाऱ्यांची आनी कर्मचाऱ्यांची नेमणूक.

[1][(6क) जिल्लो परिशदेचे वेंचून आयिल्ले वांगडी परिशदेचे सार्वत्रीक वेंचणुके उपरांत परिशदेचे पयले सभे खातीर नियत केल्ले तारखे सावन पांच वर्सांच्या अवधी मेरेन ते पयलीं परिच्छेद 16 खाला जिल्लो परिशद बरखास्त जाली ना जाल्यार अधिकारपद धारण करतले आनी नामनिर्देशीत वांगडी राज्यपालाची खोशी आसत मेरेन अधिकारपद धारण करतले:

ताका शर्त अशी कीं, आणिबाणीची उद्घोशणा जारी आसत तेन्ना वा जिका लागून राज्यपालाच्या मतान वेंचणुको घेवप वेव्हार्य जातलें अशी परिस्थिती विद्यमान आसल्यार, उक्त पांच वर्सांचो कालावधी, राज्यपालाक एकाच वेळार एका परस चड वर्स न्हय इतल्या कालावधी मेरेन आनी आणिबाणीची उद्घोशणा जारी आसत अशा कसल्याय प्रकरणांत, उद्घोशणा जारी आसपाचें बंद जातकूच स म्हयन्यां परस चड न्हय इतलो कालावधी मेरेन वाडोवं येता:

ताका आनीक शर्त अशी कीं, कसल्याय निमतान रिती जावपी सुवात भरपा खातीर वेंचून दिल्लो वांगडी, जाचे सुवातेर तो आयला आसत त्या वांगड्याच्या उरिल्ल्या अधिकार काळा मेरेन अधिकारपद धारण करतलो.]

(7) जिल्लो वा प्रादेशीक परिशदेक ती आरंभाक घडीत जातकूच ह्या परिच्छेदाच्या उप-परिच्छेद (6) हातूंत विनिर्दिश्ट केल्ल्या विशयां विशीं [1][राज्यपालाची मान्यताय] घेवन नेम करूं येतात—

(क) दुय्यम थळाव्यो परिशदो वा मंडळां हांची रचना आनी तांची कार्यपद्धत आनी तांच्या कामकाजाचें चालन; आनी

(ख) सर्वसादारणपणान, जिल्लो वा प्रदेश, जशें आसत तशें, हांच्या प्रशासना संबंदींचें कामकाज चलोवपा कडेन संबंदीत आशिल्ले सगले विशय, हांचें विनेमन करपी नेमूय तशीच मान्यताय घेवन करूं येतात:

---

[1] आसाम फेररचणूक (मेघालय) अधिनेम, 1969 (1969 चो 55वो), कलम 74 आनी चवथे अनुसुची (2-4-1970 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

ताका शर्त अशी कीं, ह्या उप-परिच्छेदा खाला जिल्लो वा प्रादेशीक परिशदे कडल्यान नेम करून जायत मेरेन, ह्या परिच्छेदाच्या उप-परिच्छेद (6) खाला राज्यपालान केल्ले नेम अशे दर एके परिशदेच्यो वेंचणुको आनी तिचे पदाधिकारी आनी कर्मचारी वर्ग आनी तिची कार्यपद्धत आनी तिच्यांतलें कामकाज चालन हांचे संबंदांत परिणामक आसतलें.

[1]* * * *

**[2]3. जिल्लो परिशदो आनी प्रादेशीक परिशदो हांचे कायदे करपाचे अधिकार.**—(1) खंयच्याय स्वायत्त प्रदेशांतल्या

---

[1] आसाम फेररचणूक (मेघालय) अधिनेम, 1969 (1969चो 55वो), कलम 74 आनी चवथे अनुसुची (2-4-1970 हे तारखे सावन लागू) वरवीं दुसर परंतूक काडलो.

[2] संविधान (बदल) अधिनेम, 2003 (2003चो 44वो), कलम 2 (7-9-2003 हे तारखे सावन लागू) वरवीं जोडिल्ले सवे अनुसुची परिच्छेद 3 आसाम राज्याक लागू करतना बदल केला, -

"(3) परिच्छेद 3क च्या उप-परिच्छेद (2) वा परिच्छेद 3ख च्या उप-परिच्छेद (2) हातूंत खेरीत उपबंध केल्लो नासत जाल्यार हो परिच्छेद वा परिच्छेद 3ख चो उप-परिच्छेद (1) वा परिच्छेद 3ख चो उप-परिच्छेद (1) हांचे खाला केल्ले सगले कायदे राज्यपालाक तत्काळ सादर करतले, आनी ताची संमती मेळ्ळ्या बगर, ते लागू जावचे नात.

परिच्छेद 3 आसाम राज्याक लागू करतना, संविधान (बदल) अधिनेम, 1995 (1995चो 42वो), कलम 2, (12-9-1995 हे तारखे सावन लागू) जोडिल्ले सवे अनुसुची वरवीं परिच्छेद 3 उपरांत मुखा वयलो परिच्छेद निविश्ट केला.

**"3क. उत्तर काछार पर्वती स्वायत्त परिशद आनी कार्बी आंगलाँग स्वायत्त परिशद हांचे कायदे करपा संबंदांतले अतिरिक्त अधिकार.-** (1) परिच्छेद 3च्या उपबंधां संबंदांत कसल्याच पूर्वग्रहा बगर, उत्तर काछार पर्वती स्वायत्त परिशद आनी कार्बी आंगलाँग स्वायत्त परिशद, हांकां तांच्या तांच्या जिल्ल्यां भितर फुडल्या बाबीं संबंदान कायदे करपाचो अधिकार आसतलो -

(a) सातवे अनुसुचीचे वळेरी-I हातूंतल्यो क्रमनोंदी 7 आनी 52 हांच्या उपबंधांचे अधीनतायेन, उद्येग;

(b) सातवे अनुसुचीचे वळेरी-I आनी वळेरी-III हांच्या उपबंधांचे अधीनतायेन येरादारी, म्हणजे रस्ते, पूल, फेरी आनी सातवे अनुसुचीचे वळेरी-Iत विनिर्दिश्ट करूंक नाशिल्लीं येरादारीचीं हेर साधनां; नागरी ट्रामसेवा, रोपवे, अंतर्गत जल-मार्ग आनी ताचे वयली येरादारी; सातवे अनुसुचींतल्यो वळेरी-I आनी वळेरी-III हांच्या अंतर्गत जल-मार्गां संबंदांतल्या उपबंधांचे अधीनतायेन: यांत्रीक आदारान चलयिल्लीं वाहनां सोडून;

(*c*) पशूंची जतनाय, संरक्षण आनी सुदारणा आनी जनावरांच्या रोगांक आळाबंद हाडप; पशू वैजकी प्रशिक्षण आनी वेवसाय; गोरवांचे कोंडवाडे

(*d*) मुळावें आनी माध्यमीक शिक्षण;

(*e*) शेती शिक्षण आनी संशोधन, किडीं पसून राखण आनी वनस्पतीच्या रोगांक आळाबंद हाडप हांचो आसपाव करून शेती;

(*f*) नुस्तेंमारी;

(तळटीप – फुडें आसा),—

---

(*g*) सातवे अनुसुचीचे वळेरी-Iतले नोंदी 56च्या उपबंधांचे अधीन उदक, उदका पुरवण, शिंपणावळ आनी कालवे, निचरो आनी तटबंदी, उदक सांठोवप आनी उदका वीज;

(*h*) समाजीक सुरक्षा आनी समाजीक विमो; रोजगार आनी बेकारी;

(*i*) गांव, भाताचीं शेतां, बाजारपेठ, शारां आनी हेर हांचो सांबाळ करपा खातीर हुंवार नियंत्रण येवजण्यो (तंत्रीक स्वरुपाच्यो न्हय);

(*j*) सातवे अनुसुचीचे वळेरी-Iतले नोंद 60च्या उपबंधा प्रमाणें थेटर, नाटक सादरीकरण, आनी सिनेमा; खेळ, मनरिजवण;

(*k*) भौशीक भलायकी आनी नितळसाण, हॉस्पिटलां आनी दवाखाने

(*l*) ल्हान शिंपणावळ;

(*m*) अन्न, गोरवांची खावड, कापूस, कच्चो ताग हांचे वेव्हार आनी वाणिज्य, आनी उत्पादन, पुरवण आनी वितरावणी.

(*n*) राज्य/ शासना कडल्यान नियंत्रीत वा अर्थीक आदार घेवपी ग्रंथालयां, संग्रहालयां आनी हेर तत्सम संस्था; संसदेन केल्ल्या खंयच्याय कायद्यान वा कायद्या खाला राष्ट्रीय म्हत्वाचें अशें जाहीर केल्लीं पुर्विल्लीं आनी इतिहासीक स्मारकां; आनी

(*o*) जमनीचें परकेकरण.

(2) उत्तर काछार पर्वती स्वायत्त मंडळ आनी कार्बी आंगलाँग स्वायत्त परिशदेन परिच्छेद 3 वा ह्या परिच्छेदा खाला केल्ले सगले कायदे, ते सातवे अनुसुचीचे तिसरे वळेरेंत आशिल्ल्या प्रकरणां कडेन संबंदीत आसत तितले मेरेन, राज्यपालाक तत्काळ सादर करचे, जे तो राष्ट्रपतीचे मान्यताये खातीर दवरतलो.

(3) जेन्ना राष्ट्रपतीचे संमती खातीर अधिनेम राखून दवरतात, तेन्ना तो एक तर उल्लेख केल्ल्या कायद्याक संमती दिता वा दिनासतना दवरता अशें जाहीर करता:

शर्त अशी कीं, राष्ट्रपतीच्यान राज्यपालाक तो कायदो उत्तर काछार पर्वती स्वायत्त परिशद वा कार्बी आंगलाँग स्वायत्त परिशद, जशें आसत तशें, हिका ते परिशदेन त्या कायद्याचेर वा तातूंतल्या विनिर्दिश्ट उपबंधांचेर फेर-विचार करचो अशें मागपी संदेशा सयत आनी खासा करून ताणें आपल्या संदेशांत सुचयिल्ल्यो आसूं येत असले खंयचेय बदल आसपावपाचे योग्यताये संदर्भांत विचार करचो अशें सांगून धाडचो, आनी जेन्ना तो कायदो अशे तरेन परतो धाडटा, तेन्ना ते परिशदेन तो कायदो असलो संदेश आयिल्ले तारखेच्यान स म्हयन्यांच्या काळा भितर संमत करचो आनी ते परिशदेन तो कायदो बदला सयत वा बदला बगर परतो संमत केल्यार, तो राष्ट्रपतीचे मान्यताये खातीर परतो धाडचो असो निर्देश दिवं येता.

परिच्छेद 3क उपरांत संविधान (बदल) अधिनेम, 2003 (2003चो 44वो), कलम 2 (7-9-2003 हे तारखे सावन लागू) क जोडिल्ले सवे अनुसुची वरवीं तो आसाम राज्याक लागू करतना, निविश्ट केल्लो सकयल दिल्लो परिच्छेद, म्हणचे:—

**"3ख. कायदे करपा खातीर बोडोलॅण्ड राज्यक्षेत्रीय परिशदेचे अतिरिक्त अधिकार.—(**1) परिच्छेद 3च्या उपबंधां विशीं पूर्वग्रहा बगर, बोडोलॅण्ड राज्यक्षेत्रीय परिशदेक आपल्या वाठारां भितर सकयल्या बाबीं विशीं कायदे करपाचो अधिकार आसतलो :—

(i) शेती शिक्षण आनी संशोधन, किडी पसून राखण आनी झाडांच्या रोगांक आळाबंद हाडप हांचे सयत शेती; (ii) पशुपालन आनी पशुवैजकी, म्हणल्यार पशूंची जतनाय, संरक्षण आनी सुदारणां आनी जनावरांच्या रोगांक आळाबंद हाडप, पशुवैजकी प्रशिक्षण आनी वेवसाय, तशेंच गोरवांचे कोंडवाडे; (iii) सहकार; (iv) सांस्कृतीक वेव्हार; (v) शिक्षण, म्हणल्यार मुळावें शिक्षण, उच्च माध्यमीक शिक्षणा सयत वेवसायीक शिक्षण, प्रौढां खातीर शिक्षण, महाविद्यालयीन शिक्षण (सर्वसादारण); (vi) नुस्तेंमारी; (vii) गांव, भाताचीं शेतां, बाजारपेठ, शारां आनी हेर हांचो सांबाळ करपा खातीर हुंवार नियंत्रण येवजण्यो (तंत्रीक स्वरुपाच्यो न्हय); (viii) अन्न आनी नागरी पुरवण; (ix) रानां

(राखीव रानां सोडून); (x) हातमाग आनी कापड; (xi) भलायकी आनी कुटुंब कल्याण; (xii) सातवे अनुसुचीचे Iतल्या नोंद 84च्या उपबंधाचे अधीनतायेन घुंवळीं द्रव्यां (सोरो), अफू आनी तातूंतल्यान निर्माण केल्लीं द्रव्यां; (xiii) शिंपणावळ; (xiv) श्रम आनी रोजगार; (xv) जमीन आनी म्हासूल; (xvi) ग्रंथालय सेवा (राज्य सरकाराच्या अर्थीक पालवान आनी नियंत्रणा खाला); (xvii) सोर्ती (सातवे अनुसुचीचे वळेरी Iतले 40वे नोंदीच्या उपबंधांचे अधीन) नाटकघरां, नाटकांचे प्रयोग आनी सिनेघरां (सातवे अनुसुचीचे वळेरी Iतले 60वे नोंदीच्या उपबंधांचे अधीन); (xviii) बाजार आनी फेरी; (xix) म्हानगरपालिका, सुदारणा करपी ट्रस्ट, जिल्लो मंडळां आनी हेर थळावीं प्राधिकरणां; (xx) राज्याच्या नियंत्रणा खाला वा अर्थीक आदारान चलपी संग्रहालय आनी पुरातत्व संस्था, संसदेन केल्ल्या खंयच्याय कायद्यान वा कायद्या खाला राष्ट्रीय म्हत्वाचीं अशें जाहीर केल्लीं सोडून, पुर्विल्लीं आनी इतिहासीक स्मारकां आनी अभिलेख (रॅकॉर्ड्स); (xxi) पंचायत आनी ग्राम विकास; (xxii) नियोजन आनी उदरगत; (xxiii) छापणावळ आनी लेखनसामुग्री; (xxiv) भौशीक भलायकी अभियांत्रिकी; (xxv) भौशीक बांदकाम खातें; (xxvi) प्रसिध्दी आनी जनसंपर्क; (xxvii) जल्म आनी मरण नोंदणी; (xxviii) आदार आनी पुनर्वसन; (xxix) रसम (रेशीम) निर्मिती; (xxx) सातवे अनुसुचीचे पयले वळेरेंतल्या नोंदी 7 आनी 52 हांच्या उपबंधांचे अधीन लघू, कुटीर आनी ग्रामीण उद्देग; (xxxi) समाज कल्याण; (xxxii) मातयेचो सांबाळ; (xxxiii) खेळां आनी युवा वेव्हार; (xxxiv) आंकडेवारी वेवस्था; (xxxv) पर्यटन; (xxxvi) सातवे अनुसुचीचे वळेरी I आनी वळेरी III हांच्या उपबंधांचे अधीनतायेन परिवहन, म्हणजे रस्ते, पूल, फेरी आनी सातवे अनुसुचीचे वळेरी Iत विनिर्दिश्ट करूंक नाशिल्लीं येरादारीचीं हेर साधनां; नागरी ट्रामसेवा, रोपवे, अंतर्गत जल-मार्ग आनी ताचे वयली येरादारी; सातवे अनुसुचींतल्यो वळेरी I आनी वळेरी III हांच्या अंतर्गत जल-मार्गां संबंदांतल्या उपबंधांचे अधीनतायेन: यांत्रीक आदारान चलयिल्लीं वाहनां सोडून; (xxxvii) राज्य सरकाराचें नियंत्रण आनी अर्थीक आदार दिवपी आदिवासी संशोधन संस्था; (xxxviii) शारी उदरगत - शार आनी नगर नियोजन; (xxxix) सातवे अनुसुचीचे वळेरी Iचे नोंद 50च्या उपबंधांचे अधीन वजनां आनी मापां; आनी (xl) तळ जमनीर रावपी जमाती आनी मागास वर्ग हांचें कल्याण:

ताका शर्त अशी कीं, असल्या कायद्यांतलें कांयच—

(a) हो अधिनेम सुरू जाल्ले तारखे सावन खंयच्याय नागरिकाचे आपले जमनी संबंदींचे विद्यमान हक्क आनी विशेशाधिकार लुप्त जावचे नात वा तातूंत बदल जावचे ना; आनी

(b) बोडोलॅण्ड राज्यक्षेत्रीय वाठार जिल्ल्यांतले जमनीच्या असल्या अधिग्रहणाक जर नागरीक हरशीं पात्र आसत जाल्यार ताका वारशान, वांटून दिल्ल्यान, वसणुकेंत वा हेर खंयचेय तरेन हस्तांतरीत जाल्ली जमीन मेळोवपा पासून आडावचें ना.

(2) परिच्छेद 3 खाला वा ह्या परिच्छेदा खाला केल्ले सगले कायदे सातवे अनुसुचीचे वळेरी IIIत निविर्दिश्ट केल्ल्या बाबीं कडेन संबंदीत आसात ते मेरेन, रोखडेच राज्यपालाक सादर करतले आनी तो ते कायदे राष्ट्रपतीच्या विचारा खातीर राखून दवरतलो.

(3) जेन्ना खंयचोय कायदो राष्ट्रपतीच्या विचारा खातीर राखून दवरतात तेन्ना राष्ट्रपती एक तर उल्लेख केल्ल्या कायद्याक संमती दिता अशें जाहीर करतलो वा ताका संमती दिवपाची आडायता अशें जाहीर करतलो:

ताका शर्त अशी कीं, राष्ट्रपतीच्यान राज्यपालाक तो कायदो बोडोलॅण्ड राज्यक्षेत्रीय परिशदेन त्या कायद्याचेर वा तातूंतल्या विनिर्दिश्ट उपबंधांचेर फेर-विचार करचो अशें मागपी संदेशा सयत आनी खासा करून ताणें आपल्या संदेशांत सुचयिल्ल्यो आसूं येत असले खंयचेय बदल आसपावपाचे योग्यताये संदर्भांत विचार करचो अशें सांगून धाडचो, आनी जेन्ना तो कायदो अशे तरेन परतो धाडटा, तेन्ना ते परिशदेन तो कायदो असलो संदेश आयिल्ले तारखेच्यान स म्हयन्यांच्या काळा भितर संमत करचो आनी ते परिशदेन तो कायदो बदला सयत वा बदला बगर परतो संमत केल्यार, तो राष्ट्रपतीचे मान्यताये खातीर परतो धाडचो असो निर्देश दिवं येता.”.

सगल्या वाठारां संबंदीं अशे तरेच्या प्रादेशीक परिशदेक आनी स्वायत्त जिल्ल्यांत कसल्योय प्रादेशीक परिशदो आसल्यार तांच्या अधिकारा खाला आसतल्यो त्यो खेरीज करून त्या जिल्ल्यांतल्या सगल्या वाठारां संबंदीं जिल्ल्यांच्या जिल्लो परिशदेक फुडल्या विशयां संबंदीं कायदे करपाचो अधिकार आसतलो—

(क) राखीव वन म्हूण आशिल्ले सोडून हेर कसलेय जमनीची शेतकामाच्या वा चरवाच्या प्रयोजना खातीर वा राबित्याच्या वा हेर बिगर शेतकी प्रयोजना खातीर वा खंयच्याय खेड्यांतल्या वा शारांतल्या रावप्यांचें जाका लागून हितसंवर्धन जावपाचो संभव आसा अश्या हेर कसल्याय प्रयोजना खातीर वांटणी, ताबो वा वापर वा ती वेगळी राखून दवरप:

ताका शर्त अशी कीं, अशा कायद्यांतलें कितेंच, खंयचेय जमनीचें मागीर ती ताब्यांत आसूं वा नासूं सक्तीन संपादन करपाचो प्राधिकार दिवपी, विशिश्ट काळांत विद्यमान आशिल्ल्या कायद्या प्रमाणें भौशीक प्रयोजना खातीर अशें संपादन करपाक [1][संबंदीत राज्याच्या सरकाराक] आडावचें ना;

(ख) राखीव वन नाशिल्ल्या खंयच्याय वनाची वेवस्था पळोवप;

(ग) शेतकामाच्या प्रयोजना खातीर खंयच्याय कालव्याचो वा जलप्रवाहाचो उपेग;

(घ) *झूम* पद्धत वा स्थान बदलाच्या शेतकामाचे हेर प्रकार हांचें विनेमन;

(ङ) गांव वा नगर समित्यो वा मंडळां हांची स्थापना आनी तांचे अधिकार;

(च) ग्राम वा नगर पुलीस आनी भौशीक भलायकी आनी नितळसाण हांचे सयत ग्राम वा नगर प्रशासन हांचे संबंदींचो हेर कसलोय विशय;

(छ) नाईक वा मुखेली हांची नेमणूक वा उत्तराधिकार;

(ज) संपत्तीचो वारसो;

[2][(झ) लग्न आनी घटस्फोट];

(ञ) समाजीक प्रथा.

(2) ह्या परिच्छेदांत "राखीव वन" हाचो अर्थ जो वाठार आसाम वन विनेमन, 1891 खाला वा संबंदीत वाठारांत विशिश्ट काळांत विद्यमान आशिल्ल्या हेर कसल्याय कायद्या खाला राखीव वन आसत असो खंयचोय वाठार असो आसा.

---

[1] पुर्वोत्तर वाठार (फेररचणूक) अधिनेम, 1971 (1971चो 81वो), कलम 71 (i) आनी आठवे अनुसुची (21-1-1972 हे तारखे सावन लागू) वरवीं विशिश्ट उतरांचे सुवातेर घालें.

[2] आसाम फेररचणूक (मेघालय) अधिनेम, 1969 (1969चो 55वो), कलम 74 आनी चवथी अनुसुची (2-4-1970 हे तारखे सावन लागू) वरवीं पोटकलम (i) हे सुवातेर घालें.

(3) ह्या परिच्छेदा खाला केल्ले सगले कायदे तत्काळ राज्यपाला मुखार दवरतले आनी, तो तांकां अनुमती दीत मेरेन ते परिणामक जावचे नात.

[1]**4. स्वायत्त जिल्ल्यांनी आनी स्वायत्त प्रदेशांनी न्यायदान प्रक्रिया.**—(1) हे अनुसुचीच्या परिच्छेद (5)च्या उप-परिच्छेद (1)चे उपबंध लागू जातात अश्या खटले आनी प्रकरणां खेरीज, स्वायत्त प्रदेशाचे बाबतींत तशा प्रदेशांतल्या वाठारां खातीर प्रादेशीक परिशद आनी स्वायत्त जिल्ल्याचे बाबतींत त्या जिल्ल्यांतल्या प्रादेशीक परिशदांच्या अधिकारा खाला येवपी वाठार आसल्यार ते सोडून हेरां खातीर जिल्लो परिशद, आनी जिल्ल्यांतल्या अश्या वाठारां खातीर जंय सगले पक्षकार अनुसुचीत जमातींचे आसात त्या दिवाणी खटल्यांचे आनी प्रकरणांचे न्याय चवकशे खातीर राज्यांतलीं हेर न्यायालयां सोडून गांव मंडळां वा न्यायालयां घडयतले, आनी अश्या गांव मंडळांचे वांगडी म्हूण वा न्यायालयांचे पिठासीन अधिकारी म्हूण योग्य व्यक्तींची नेमणूक करतले, आनी हे अनुसुचीच्या परिच्छेद 3 खाला केल्ल्या कायद्यांच्या प्रशासनाक गरजेच्या अशा अधिकाऱ्यांची नेमणुकूय करतले.

(2) ह्या संविधानांत कितेंय आसलें तरी, स्वायत्त प्रदेशा खातीर प्रादेशीक परिशद वा प्रादेशीक परिशदे वतीन घडयिल्लें खंयचेंय न्यायालय, वा स्वायत्त जिल्लो वाठारांत प्रादेशीक परिशद नासत जाल्यार, अश्या जिल्ल्या खातीर जिल्लो परिशद, वा जिल्लो परिशदे वतीन स्थापन केल्लें खंयचेंय न्यायालय, गांव मंडळाच्यान वा ह्या परिच्छेदाच्या उप-परिच्छेद 1 खाला घडयिल्ल्या त्या प्रदेशांतल्या वा वाठारांतल्या, जशें आसत तशें, न्यायालयाच्यान हाताळूं येतात अश्या, हे अनुसुचीच्या परिच्छेद 5 उप-परिच्छेद 1चे उपबंध लागू जातात ते सोडून, सगल्या खटल्यांचे वा प्रकरणांचे बाबतींत अपिलाचें न्यायालय म्हूण अधिकार वापरतलें, आनी उच्च न्यायालय आनी सर्वोच्च न्यायालय सोडून हेर खंयच्याच न्यायालयाचें अश्या प्रकरणांनी न्यायाधिकारक्षेत्र आसचें ना.

(3) ह्या परिच्छेदाच्या उप-परिच्छेद (2)चे उपबंध जांकां लागू आसात अशा दाव्यांचेर आनी खटल्यांचेर राज्यपाल त्या-त्या वेळार आदेशा वरवीं विनिर्दिश्ट करीत अशें न्यायाधिकारक्षेत्र [2]*** उच्च न्यायालयाक आसतलें आनी तें-ते न्यायाधिकारक्षेत्र वापरतलें.

---

[1] संविधान (बदल) अधिनेम, 2003 (2003चो 44वो), कलम 2, (7-9-2003 हे तारखे सावन लागू) वरवीं 4थो परिच्छेद आसाम राज्याक लागू करतना जोडिल्ले सवे अनुसुचीच्या उप-परिच्छेद (5) उपरांत सकयल दिल्लो उप-परिच्छेद घालपा पासत बदल्ला, तो असोः-

"(6) हे अनुसुचीच्या परिच्छेद 2च्या उप-परिच्छेद (3) हाच्या परंतुका खाला घडयिल्ले बोडोलॅण्ड राज्यक्षेत्रीय परिशदेक ह्या परिच्छेदांतलें कांयच लागू जावचें ना."

[2] पुर्वोत्तर वाठार (फेररचणूक) अधिनेम, 1971 (1971चो 81वो), कलम 71(i) आनी आठवी वळेरी (21-1-1972 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "आसामाचें" हीं उतरां काडलीं.

(4) प्रादेशीक परिशदेच्यान वा, जिल्लो परिशदेच्यान, जशें आसत तशें, राज्यपालाची पूर्वमान्यताय घेवन फुडल्या विशयांचें विनेमन करपी नेम करूं येतात—

(क) ग्राम मंडळां आनी न्यायालयां हांची घडण आनी तांणी हे परिशदे खाला वापरपाचे अधिकार;

(ख) ह्या परिच्छेदाच्या उप-परिच्छेद (1) खाला दाव्यांची आनी खटल्यांची न्याय चवकशी करतना ग्राम मंडळांनी वा न्यायालयांनी वापरपाची कार्यपद्धत;

(ग) ह्या परिच्छेदाच्या उप-परिच्छेद (2) खाला अपिलांनी आनी हेर कार्यवाहींत, प्रादेशीक वा जिल्लो परिशदेन वा अशे परिशदेन घडीत केल्ल्या खंयच्याय न्यायालयान वापरपाची कार्यपद्धत;

(घ) अश्या परिशदांच्या आनी न्यायालयांच्या निर्णयांची आनी आदेशांची अंमलबजावणी;

(ङ) ह्या परिच्छेदाचे उप-परिच्छेद (1) आनी (2) हांचे उपबंध कार्यान्वीत करपाक सहायकारी आशिल्ले हेर विशय.

[1][(5) [2][संबंदीत राज्य सरकाराचो विचार घेतल्या उपरांत] राष्ट्रपती अधिसुचोवणे वरवीं हे संबंदीं नियत करीत अशे तारखेक आनी तेन्ना सावन, हो परिच्छेद अधिसुचोवणेंत विनिर्दिश्ट करीत अश्या स्वायत्त जिल्ल्याच्या वा प्रदेशाच्या संबंदांत अशे तरेन परिणामक जातलो की, जशे परीं—

(i) उप-परिच्छेद (1) हातूंतल्या "हे अनुसुचीच्या परिच्छेद (5)च्या उप-परिच्छेद (1) हाचे उपबंध जांकां लागू आसात अशे दावे आनी खटले हांचे परस वेगळे अशे, जांचे भितरले सगलेजाण अशा वाठारां भितरल्या" ह्या उतरांचे सुवातेर "हे अनुसुचीच्या परिच्छेद (1) हातूंत निर्दिश्ट केल्ल्या स्वरुपाचे नासतीत अशे जे दावे आनी खटले राज्यपाल हे संबंदीं विनिर्दिश्ट करीत तांच्या" हीं उतरां घाल्लीं;

(ii) उप-परिच्छेद (2) आनी (3) काडिल्ले;

(iii) उप-परिच्छेद (4) हातूंत—

(क) "प्रादेशीक परिशदेच्यान वा, जिल्लो परिशदेच्यान, जशें आसत तशें, राज्यपालाची पूर्वमान्यताय घेवन फुडल्या विशयांचें विनेमन करपी नेम करूं येतात" ह्या उतरांचे सुवातेर "राज्यापालाच्यान विनेमन करूंक नेम करूं येतात" हीं उतरां घाल्लीं**;** आनी

(ख) पोटकलम (क)चे सुवातेर फुडलें पोटकलम घाल्लें आशिल्लें, तें अशें:—

---

[1] आसाम फेररचणूक (मेघालय) अधिनेम, 1969 (1969 चो 55वो), कलम 74 आनी चवथी अनुसुची (2-4-1970 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[2] पुर्वोत्तर वाठार (फेररचणूक) अधिनेम, 1971 (1971 चो 81वो), कलम 71(i) आनी आठवी अनुसुची (21-1-1972 हे तारखे सावन लागू) वरवीं विशिश्ट उतरांचे सुवातेर घालें.

"(क) ग्राम मंडळां आनी न्यायालयां हांची घडण, तांणी ह्या परिच्छेदा खाला वापरपाचे अधिकार आनी ग्राममंडळांच्या आनी न्यायालयांच्या निर्णयांचेर जांचे कडेन अपिलां करूं येतात तीं न्यायालयां;";

(ग) पोटकलम (ग)चे सुवातेर फुडलें पोटकलम घाल्लें, तें अशें—

"(ग) उप-परिच्छेद (5) खाला राष्ट्रपतीन नियत केल्ले तारखेचे निकटपूर्व, प्रादेशीक वा जिल्लो परिशदे मुखार वा अशे परिशदेन घडीत केल्ल्या खंयच्याय न्यायालया मुखार प्रलंबीत आशिल्लीं अपिलां आनी हेर कार्यवाह्यो हांचें अंतरण;"; आनी

(घ) पोटकलम (ङ)तल्या "उप-परिच्छेद (1) आनी (2)" ह्या उतरांचे, कंसांचे आनी आंकड्यांचे सुवातेर उप-परिच्छेद (1) हो कंस आनी आंकडो घाल्ले.]

**5. विशिश्ट दावे, खटले आनी गुन्यांव हांचे न्यायचवकशे खातीर प्रादेशीक आनी जिल्लो परिशदो आनी विशिश्ट न्यायालयां तशेंच अधिकारी हांकां दिवाणी प्रकिया संहिता, 1908 आनी फौजदारी प्रक्रिया संहिता, 1898[1], हांचे खाला अधिकारांचें प्रदान.**—(1) खंयच्याय स्वायत्त जिल्ल्यांत वा प्रदेशांत विद्यमान आशिल्लो जो कायदो राज्यपालान ते संबंदीं विनिर्दिश्ट केल्लो आसत अशा खंयच्याय कायद्यांतल्यान उप्रासपी दाव्यांचे वा खटल्यांचे न्यायचवकशे खातीर वा भारतीय दंड संहिते खाला वा अश्या जिल्ल्याक वा प्रदेशाक विशिश्ट काळांत लागू आशिल्ल्या हेर खंयच्याय कायद्या खाला देहान्त, जन्मठेप वा उणीच तीं पांच वर्सां इतले मुजतीची बंदखण ह्या ख्यास्तींक पात्र आशिल्ल्या गुन्यांवांचे न्याय चवकशे खातीर, राज्यपाल अश्या जिल्ल्यांचेर वा प्रादेशीक परिशदेन वा अशे जिल्लो परिशदेन घडीत केल्ल्या न्यायालयाक वा राज्यपालान ते संबंदांत नेमिल्ल्या खंयच्याय अधिकाऱ्याच्यान 'दिवाणी प्रक्रिया संहिता, 1908, वा, फौजदारी प्रक्रिया संहिता, 1898[1], जशें आसत तशें" हे खाला ताका समुचीत दिसतीत अशे अधिकार प्रदान करूं येतात आनी त्या उपरांत उक्त परिशद, न्यायालय वा अधिकारी हे प्रमाणें प्रदान केल्ल्या अधिकारांचो वापर करून ते दावे, खटले वा गुन्यांव हांची न्यायचवकशी करतलो.

(2) ह्या परिच्छेदाच्या उप-परिच्छेद (1) खाला जिल्लो परिशदेक, प्रादेशीक परिशदेक, न्यायालयाक वा अधिकाऱ्याक प्रदान केल्ल्या अधिकारांतलो खंयचोय अधिकार राज्यपालाच्यान काडून घेवं येता वा तातूंत फेरसुदारणा करूं येता.

(3) ह्या परिच्छेदाचे उपबंध जाका लागू जातात अश्या स्वायत्त जिल्ल्यांत वा खंयच्याय स्वायत्त प्रदेशांत कसलेय दावे, खटले वा गुन्यांव हांची जी न्यायचवकशी जाता तिका दिवाणी प्रक्रिया संहिता,1908, आनी फौजदारी प्रक्रिया संहिता,1898[1], हे ह्या परिच्छेदांत स्पश्टपणान उपबंधीत केल्लें आसत तें सोडून, हरशीं लागू आसचे नात.

---

[1] फौजदारी कार्यपद्धती संहिता, 1973 (1974चो 2वो) *पळोवची.*

[1][(4) खंयच्याय स्वायत्त जिल्ल्याच्या वा स्वायत्त प्रदेशाच्या संबंदांत परिच्छेद 4च्या उप-परिच्छेद (5) खाला राष्ट्रपतीन नियत केल्ले तारखेक आनी तेन्नाच्यान ह्या परिच्छेदांत आशिल्ली खंयचीय बाब त्या जिल्ल्याक वा प्रदेशाक लागू जातना, ह्या परिच्छेदाच्या उप-परिच्छेद (1) हातूंत विनिर्दिश्ट केल्ल्यां भितरलो खंयचोय अधिकार जिल्लो परिशदेक वा प्रादेशीक परिशदेक वा जिल्लो परिशदेन घडीत केल्ल्या न्यायालयांक प्रदान करपाक राज्यपालाक प्राधिकृत करता अशें मानचे नात.]

[2][**6. मुळाव्यो शाळा इत्यादी स्थापन करपाच्यो जिल्लो परिशदेचे अधिकार.**—(1) स्वायत्त जिल्ल्याचे जिल्लो परिशदेच्यान जिल्ल्यांत मुळाव्यो शाळा, दवाखाने, बाजार, [3][कोंडवाडे], तारी, नुस्तेंमारी, रस्ते, मार्ग परिवहन सेवा आनी जलमार्ग स्थापन करूं येतात, बांदूं येतात वा तांचें वेवस्थापन करूं येता आनी राज्यपालाची पूर्वमान्यताय घेवन, तांचें विनेमन आनी नियंत्रण हांचे खातीर विनेम करूं येतात आनी, विशेशतायेन, जिल्ल्यांतल्या मुळाव्या शाळांतल्यान मुळावें शिक्षण खंयचे भाशेंतल्यान आनी खंयचे रितीन दिवचें हें विहीत करूं येता.

(2) राज्यपालाच्यान, खंयचेय जिल्लो परिशदेचे संमतेन, ते परिशदे कडेन वा तिच्या अधिकाऱ्या कडेन शेतकाम, पशुपालन, सामुहीक प्रकल्प, सहकारी सोसायट्यो, समाज कल्याण, ग्राम नियोजन वा[4]*** राज्याच्या शासनाधिकाराचे व्याप्तेंत येता आसत अशी हेर कसलीय बाब हांचे संबंदींचीं कार्यां सशर्त वा बिनशर्त सोंपोवं येतात.]

**7. जिल्लो आनी प्रादेशीक निधी.**—(1) दर एका स्वायत्त जिल्ल्या खातीर एक जिल्लो निधी आनी दर एका स्वायत्त प्रदेशा खातीर एक प्रादेशीक निधी घडीत करतले आनी ह्या संविधानाच्या उपबंधां प्रमाणें, अशा जिल्ल्याचें वा, जशें आसत तशें, प्रदेशाचें प्रशासन करता आसतना त्या ओघांत त्या जिल्ल्याचे जिल्लो परिशदे कडेन आनी त्या प्रदेशाचे प्रादेशीक परिशदे कडेन आयिल्लो सगलो दुडू त्या-त्या निधींत जमा करतले.

---

[1] आसाम फेररचणूक (मेघालय) अधिनेम, 1969 (1969चो 55वो), कलम 74 आनी चवथी अनुसुची (2-4-1970 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[2] कित्तो - कलम 74 आनी चवथी अनुसुची (2-4-1970 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "परिच्छेद 6" चे सुवातेर घालें.

[3] निसरीत आनी बदल अधिनेम, 1974 (1974चो 56वो), कलम 4 (20-12-1974 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "गोरवांचे कोंडवाडे" हे सुवातेर घालें.

[4] पुर्वोत्तर वाठार (फेररचणूक) अधिनेम, 1971 (1971चो 81वो), कलम 71 (i) आनी आठवी अनुसुची (21-1-1972 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "आसामाचें वा मेघालयाचें, जशें आसत तशें," हीं उतरां काडलीं.

[1][(2) जिल्लो निधीच्या वा प्रादेशीक निधीच्या, जशें आसत तशें, वेवस्थापना खातीर आनी उक्त निधींत दुडवांचो भरणो करपा खातीर, तातूंतल्यान दुडू काडप, तातूंतल्या दुडवांची अभिरक्षा करप आनी पुर्वोक्त बाबीं कडेन संबंदीत वा तांकां सहायकारी आशिल्ली कसलीय बाब हाचे संबंदांत आपणावपाचे कार्यपद्दती संबंदान राज्यपालाच्यान नेम करूं येतात.

(3) जिल्लो परिशदेचे वा प्रादेशीक परिशदेचे लेखे, जशें आसत तशें, भारताचो नियंत्रक आनी महालेखापरिक्षक राष्ट्रपतीचे मान्यतायेन विहीत करतलो अश्या नमुन्यांत दवरतले.

(4) नियंत्रक आनी महालेखा परिक्षक, ताका योग्य दिसत अशे रितीन जिल्लो आनी प्रादेशीक परिशदांच्या लेख्यांचें लेखापरिक्षण करूंक लायतलो, आनी अश्या लेख्यां संबंदींचे नियंत्रक आनी महालेखा परिक्षकाचे अहवाल राज्यपाला मुखार दवरतले आनी तो ते परिशदे मुखार दवरूंक लायतलो.]

**8. जमीन-म्हासूल निर्धारीत करून ताची वसुली करपाचे आनी कर लावपाचे अधिकार.**—(1) स्वायत्त प्रदेशाचे प्रादेशीक परिशदेक अश्या प्रदेशांतले सगले जमनी संबंदीं आनी स्वायत्त जिल्ल्याचे जिल्लो परिशदेक जिल्ल्यांत खंयच्योय प्रादेशीक परिशदो आसल्यार तांच्या अधिकारा खालच्या क्षेत्रांनी आसतल्यो त्यो सोडून जिल्ल्यांतल्या सगल्या जमनी संबंदांत [2][सर्वसादारणपणान राज्यांत जमीन-म्हासुला खातीर जमनी संबंदीं निर्धारण करतना राज्याच्या सरकारान] विशिश्ट काळांत आपणायिल्ल्या तत्वां प्रमाणें, म्हासुलाचें निर्धारण करून ताची वसुली करपाचो अधिकार आसतलो.

(2) स्वायत्त प्रदेशाचे प्रादेशीक परिशदेक अश्या प्रदेशांतल्या सगल्या वाठारां संबंदीं आनी स्वायत्त जिल्लो परिशदेक, जिल्ल्यांत खंयच्योय प्रादेशीक परिशदो आसल्यार तांचे हुकमती खाला आसतीत त्यो सोडून जिल्ल्यांतल्या सगल्या वाठारां संबंदीं अश्या वाठारांतल्या जमनीचेर आनी इमारतींचेर कर आनी थंय रावपी व्यक्तींचेर पथकर लावपाचो आनी ताची वसुली करपाचो अधिकार आसतलो.

(3) स्वायत्त जिल्ल्याचे जिल्लो परिशदेक अश्या जिल्ल्यांतले सगले वा तांचे मदले कसलेय कर लावपाचो आनी तांची वसुली करपाचो अधिकार आसतलो, म्हणल्यार—

(क) वेवसाय, उदीम, आजिविका आनी नोकऱ्यो हांचे वयलो कर;

(ख) प्राणी, वाहनां आनी नौका हांचे वयलो कर;

[1] आसाम फेररचणूक (मेघालय) अधिनेम, 1969 (1969चो 55वो), कलम 74 आनी चवथी अनुसुची (2-4-1970 हे तारखे सावन लागू) वरवीं उप-परिच्छेद (2) चे सुवातेर घालें.

[2] पुर्वोत्तर वाठार (फेररचणूक) अधिनेम, 1971 (1971चो 81वो), कलम 71(i) आनी आठवी अनुसुची (21-1-1972 हे तारखे सावन लागू) वरवीं विशिश्ट उतरांचे सुवातेर घालें.

(ग) बाजारांत विक्रे खातीर आयिल्ल्या वस्तूंचेर कर, आनी वाहनांनी हाडिल्ल्या प्रवाशांचेर आनी वस्तूंचेर टोल-कर; [1]***

(घ) शाळा, भलायकी केंद्रां वा रस्त्यांचे देखरेखीचेर कर;

[2][आनी]

[3][(ङ) आदरातिथ्य आनी मनरिजवणींचेर कर.]

(4) प्रादेशीक परिशदेच्यान वा, जिल्लो परिशदेच्यान ह्या परिच्छेदाच्या उप-परिच्छेद (2) आनी (3) हातूंत विनिर्दिश्ट केल्ल्यां मदले कसलेय कर लावपा खातीर आनी तांची वसुली करपा खातीर उपबंध करपी विनेम करूं येतात [4][आनी असो दर एक विनेम तत्काळ राज्यपालाक कळयतले आनी तो ताका अनुमती दी मेरेन, तो परिणामक जावचो ना.]

[5]**9. खनिजां खातीर पूर्वेक्षण करपाच्या वा तीं काडपाच्या प्रयोजना खातीर परवाने वा भाडेंपटी.—** (1) स्वायत्त जिल्ल्यांतल्या खंयच्याय वाठारा संबंदीं खनिजां खातीर पुर्वेक्षण करपाच्या वा तीं काडपाच्या प्रयोजना खातीर [6][राज्याच्या सरकारान] दिल्ले परवाने वा भाडेंपटी हांचे पसून दर वर्सा उपार्जीत जावपी स्वामित्वांचो [6][राज्याचें सरकार] आनी अश्या जिल्ल्याची जिल्लो परिशद हांचे भितर सहमतीन थारत असो वांटो ते जिल्लो परिशदे कडेन सुपूर्द करतले.

(2) जर जिल्लो परिशदे कडेन सुपूर्द करपाच्या स्वामित्वांतल्या अश्या वांट्या संबंदीं कसलोय तंटो उप्रासलो जाल्यार, तो निर्णया खातीर राज्यपाला कडेन व्हरतले आनी राज्यपालान स्वताच्या स्वेच्छाधिकारान निर्धारीत केल्ली रक्कम ह्या परिच्छेदाच्या उप-परिच्छेद (1) खाला जिल्लो परिशदेक दिवपाची रक्कम म्हूण निश्चीत करतले आनी राज्यपालाचो निर्णय निमणो आसतलो.

---

[1] संविधान (एकशें एकावो बदल) अधिनेम, 2016, कलम 16 (i) (16-9-2016 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "आनी" हें उतर काडलां.

[2] कित्तो- कलम 16(ii), (16-9-2016 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[3] कित्तो- कलम 16 (iii), (16-9-2016 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[4] आसाम फेररचणूक (मेघालय) अधिनेम, 1969 (1969चो 55 वो), कलम 74 आनी चवथी अनुसुची (2-4-1970 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[5] संविधान (बदल) अधिनेम, 1988 (1988चो 67 वो), कलम 2 (16-12-1988 हे तारखे सावन लागू) वरवीं परिच्छेद 9 त्रिपुरा आनी मिझोराम राज्यांक लागू करतना जोडिल्ले सवे अनुसुचीच्या उप-परिच्छेद (2) उपरांत सकयल दिल्लो परिच्छेद निविश्ट करपा पासत बदल्ला, तो उप-परिच्छेद असोः

"(3) राज्यपालाच्यान, आदेशा वरवीं, ह्या परिच्छेदा खाला जिल्लो परिशदेक दिवपाचो स्वामित्वधनाचो वांटो, उप-परिच्छेद (1) खाला केल्ल्या कसल्याय कराराचे तारखे सावन एका वर्साच्या काळा भितर वा उप-परिच्छेद (2) खाला कितेंय थारायलां तें, जशें आसत तशें, ते परिशदेक दिवंक सांगू येता."

[6] पुर्वोत्तर राज्यक्षेत्रीय (फेररचणूक) अधिनेम, 1971 (1971चो 81वो), कलम 71(i) आनी आठवी अनुसुची (21-1-1972 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "आसाम सरकार" हे सुवातेर घालें.

**[1]10. बिगर आदिवासी लोकांनी सावकारी करप आनी वेपार करपाचेर नियंत्रण दवरपा खातीर नेम करपाचो जिल्लो परिशदेचो अधिकार.—**(1) स्वायत्त जिल्ल्याचे जिल्लो परिशदेच्यान जिल्ल्यांत रावपी अनुसुचीत जमाती सोडून हेर व्यक्तींनी जिल्ल्या भितर सावकारेच्या वा वेपार करपाच्या विनेमन आनी नियंत्रणा खातीर विनेम करूं येतात.

(2) विशेशतायेन आनी पुर्वगामी अधिकाराचे सामान्यतायेक कसलीच बादा येनासतना अशा विनेमा वरवीं—

(क) सावकारेचो परवानो धारक सोडून हेर कोणूच सावकारेचो धंदो करचो ना अशें विहीत करूं येता;

(ख) सावकाराच्यान कळंतराचो जो दर लावं येता वा ज्या दरान वसुली करूं येता तो चडांत चड कळंतर दर विहीत करूं येता;

(ग) सावकारांनी हिशोब दवरप आनी जिल्लो परिशदे वतीन तपासणे पासत नेमिल्ल्या अधिकाऱ्यांनी अशा हिशबाची तपासणी करप हांचे खातीर उपबंध करूं येता;

(घ) त्या जिल्ल्यांत रावपी अनुसुचीत जमातींचो वांगडी ना अशे खंयचेच व्यक्तीक कसल्याय जिनसाच्या ठोक वा किरकोळ वेपारा संबंदान जिल्लो परिशदेन परवानो दिल्या बगर असो वेपार चलोवंक मेळचो ना अशें विहीत करूं येता:

---

[1] परिच्छेद 10, त्रिपुरा आनी मिझोराम राज्यांक लागू करतना तातूंत संविधान (बदल) अधिनेम, 1988 (1988 चो 67वो) क जोडिल्ली सवी अनुसुची, कलम 2 (16-12-1988 हे तारखे सावन लागू) वरवीं सकयल दिल्ले भशेन बदल केला:
अशे तरेन—

(क) माथाळ्यांत "बिगर आदिवासींनी" हीं उतरां काडूंक जाय;

(ख) उप-परिच्छेद (1)त, "अनुसुचीत जमाती सोडून" हीं उतरां काडूंक जाय;

(ग) उप-परिच्छेद (2)त, पोटकलम (घ) चे सुवातेर, सकयल दिल्लें पोटकलम घालतले, तें अशें:—

"(घ) जिल्लो परिशदेन त्या कारणाक जारी केल्ल्या परवान्या खाला सोडल्यार, त्या जिल्ल्यांत रावपी कोणूच व्यक्ती ठोक वा किरकोळ कसलोच वेपार करचो ना अशें निर्देशतात."

ताका शर्त अशी कीं, ह्या परिच्छेदा खाला कसलेच विनेम, जिल्लो परिशदेचे वट्ट वांगडी संख्येच्या उण्याच त्या तीन-चतुर्थांश इतल्या भोवमतान ते संमत जाल्या बगर करूंक मेळचे नात:

ताका आनीक शर्त अशी कीं, अशे विनेम करपाच्या वेळाचे पयलीं सावन जो सावकार वा वेपारी जिल्ल्यांत धंदो चलयत आयला आसत ताका परवानो दिवपाचें नाकारप अशा कसल्याय नेमां प्रमाणें कायदेशीर जावचें ना.

(3) ह्या परिच्छेदा खाला केल्ले सगले विनेम तत्काळ राज्यपाला मुखार दवरतले आनी तो तांकां अनुमती दीत मेरेन, ते परिणामक जावचे नात.

*                    *                    *                    *

**11. हे अनुसुची खाला केल्ल्या कायद्यांचें, नेमांचें आनी विनेमांचें प्रकाशन.—**जिल्लो परिशदेन वा प्रादेशीक परिशदेन हे अनुसुची खाला केल्ले सगले कायदे, नेम आनी विनेम तत्काळ राज्याच्या शासकी राजपत्रांत उजवाडायतले आनी अशी उजवाडावणी जातकूच ते कायद्यां इतलेच प्रभावी थारतले.

****-***12. [1][संसदेचे आनी आसाम राज्याच्या विधीमंडळाचे अधिनेम आसाम राज्यांतल्या स्वायत्त जिल्ल्यांक आनी स्वायत्त प्रदेशांक लागू करप].**—(1) ह्या संविधानांत कितेंय आसलें तरी,—

---

* परिच्छेद 10 आसाम राज्याक लागू करतना, उप-परिच्छेद (3) उपरांत सकयल दिल्लो उप-परिच्छेद निविश्ट करपा पासत संविधान (बदल) अधिनेम, 2003 (2003चो 44 वो), कलम 2 (7-9-2003 हे तारखे सावन लागू) वरवीं बदलला, तो असो आसाः—

“(4) हे अनुसुचीच्या परिच्छेद (2)च्या उप-परिच्छेद (3)च्या परंतुका खाला घडयिल्ले बोडोलॅण्ड राज्यक्षेत्रीय परिशदेक ह्या परिच्छेदांतलें कांयच लागू जावचें ना.”.

** परिच्छेद 12 आसाम राज्याक लागू करतना तो संविधान (बदल) विधेयक 1995 (1995चो 42वो), कलम 2 (12-9-1995 हे तारखे सावन लागू) वरवीं जोडिल्ले सवे अनुसुची बदल्ला, तो असो, –

‘परिच्छेद 12त, उप-परिच्छेद (1)त “हे अनुसुचीच्या परिच्छेद 3त विनिर्दिश्ट बाबींनी” ह्या उतरां आनी आंकड्याचे सुवातेर, “हे अनुसुचीच्या परिच्छेद 3 वा परिच्छेद 3क त विनिर्दिश्ट बाबी हीं उतरां, आंकडे आनी अक्षर” हीं घालचीं.’.

*** परिच्छेद 12 आसाम राज्याक लागू करतना तो संविधान (बदल) विधेयक 2003 (2003चो 44वो), कलम 2 (7-9-2003 हे तारखे सावन लागू) वरवीं जोडिल्ले सवे अनुसुची बदलला, तो असोः—

‘परिच्छेद 12त, उप-परिच्छेद (1)त पोटकलम (क)त “हे अनुसुचीच्या परिच्छेद 3 वा परिच्छेद 3क त विनिर्दिश्ट बाबींनी” ह्या उतरांचे, आंकड्यांचे आनी अक्षरांचे सुवातेर, “हे अनुसुचीच्या परिच्छेद 3 वा परिच्छेद 3क वा परिच्छेद 3ख त विनिर्दिश्ट बाबी” हीं उतरां, आंकडे आनी अक्षरां घालचीं.’

[1] पुर्वोत्तर राज्यक्षेत्रीय (फेररचणूक) अधिनेम, 1971 (1971चो 81वो), कलम 71(i) आनी आठवी अनुसुची (21-1-1972 हे तारखे सावन लागू) वरवीं माथाळ्या खातीर हे सुवातेर घालें.

(क) जांचे संबंदीं जिल्लो परिशदेच्यान वा प्रादेशीक परिशदेच्यान कायदे करूं येतात अशे विशय म्हूण हे अनुसुचीच्या परिच्छेद (3) हातूंत विनिर्दिश्ट केल्ल्यां भितरल्या कसल्याय विशया संबंदींचो आसाम राज्याच्या विधीमंडळाचो खंयचोय अधिनेम आनी गाळूंक नाशिल्ल्या मद्यार्कयुक्त सोऱ्याचें सेवन मना करपी व ताचेर निर्बंध घालपी [1][आसाम राज्याच्या विधीमंडळाचो] कसलोय अधिनेम [2][त्या राज्यांतल्या] खंयच्याय स्वायत्त जिल्ल्याक वा स्वायत्त प्रदेशाक द एके बाबींत अशा जिल्ल्याचे जिल्लो परिशदेन वा अशा प्रदेशाचेर अधिकारिताय आसपी जिल्लो परिशदेन जाहीर अधिसुचोवणे वरवीं तशें निदेशीत केल्या बगर, लागू जावचो ना, आनी खंयच्याच अधिनेमाचे बाबतींत असो निदेश दितना जिल्लो परिशदेच्यान अशें निदेशीत करूं येता की, अशा जिल्ल्याक वा प्रदेशाक वा ताच्या खंयच्याय भागाक लागू जातना तो अधिनेम तिका योग्य दिसतीत अशा आडवादां सयत वा फेरबदलां सयत परिणामक जातलो.

(ख) राज्यपालाच्यान जाहीर अधिसुचोवणे वरवीं अशें निदेशीत करूं येता की, जाका ह्या उप-परिच्छेदाच्या पोटकलम (क)चे उपबंध लागू जायनात असो संसदेचो वा [1][आसाम राज्याच्या विधीमंडळाचो] खंयचोय अधिनेम, [2][त्या राज्यांतल्या] स्वायत्त जिल्ल्याक वा स्वायत्त प्रदेशाक लागू आसचो ना, वा अशा जिल्ल्याक वा प्रदेशाक वा ताच्या खंयच्याय भागाक तो अधिसुचोवणेंत विनिर्दिश्ट करीत अशा आडवादां सयत वा फेरबदलां सयत लागू जातलो.

(2) ह्या परिच्छेदाच्या उप-परिच्छेद (1) खाला दितात तो कसलोय निदेश पूर्वलक्षी प्रभावा सयत दिवं येता.

[3][**12क. संसदेचे आनी मेघालय राज्याच्या विधीमंडळाचे अधिनेम मेघालय राज्यांतल्या स्वायत्त जिल्ल्यांक आनी स्वायत्त प्रदेशांक लागू करप.**—ह्या संविधानांत कितेंय आसलें तरी,—

---

[1] पुर्वोत्तर वाठार (फेररचणूक) अधिनेम, 1971 (1971चो 81वो), कलम 71(i) आनी आठवी अनुसुची (21-1-1972 हे तारखे सावन लागू) वरवीं " त्या राज्याचें विधीमंडळ" हे सुवातेर घालें.

[2] कित्तो- कलम 71(i) आनी आठवी अनुसुची (21-1-1972 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[3] कित्तो- कलम 71(i) आनी आठवी अनुसुची (21-1-1972 हे तारखे सावन लागू) वरवीं परिच्छेद 12क हे सुवातेर घालें.

(क) हे अनुसुचीचो परिच्छेद 3, उप-परिच्छेद (1), हातूंत विनिर्दिश्ट केल्ले खंयच्याय विशया संबंदीं मेघालय राज्यांतले जिल्लो वा प्रादेशीक परिशदेन केल्ल्या कायद्याचो खंयचोय उपबंध वा हे अनुसुचीचो परिच्छेद 8 वा परिच्छेद 10 हाचे खाला त्या राज्यांतले जिल्लो परिशदेन वा प्रादेशीक परिशदेन केल्ल्या कसल्याय विनेमाचो खंयचोय उपबंध हो, जर त्या विशया संबंदीं मेघालय राज्याच्या विधीमंडळान केल्ल्या कायद्याच्या खंयच्याय उपबंधाक प्रतिकूल आसत जाल्यार, जिल्लो परिशदेन वा, प्रादेशीक परिशदेन, जशें आसत तशें, केल्लो कायदो वा विनेम – मागीर तो मेघालय राज्याच्या विधीमंडळान केल्ल्या कायद्याचे पयलीं केल्लो आसूं वा मागीर केल्लो आसूं – प्रतिकूलतायेचे व्याप्ते पुरतो शून्य जातलो आनी मेघालय राज्याच्या विधीमंडळान केल्लो कायदो चड प्रभावी थारतलो;

(ख) राष्ट्रपतीच्यान अधिसुचोवणे वरवीं संसदेच्या खंयच्याय अधिनेमा विशीं अशें निदेशीत करूं येता की, तो अधिनेम मेघालय राज्यांतल्या खंयच्याय स्वायत्त जिल्ल्याक वा स्वायत्त प्रदेशाक लागू आसचो ना वा अशा जिल्ल्याक वा प्रदेशाक वा ताच्या खंयच्याय भागाक तो स्वता अधिसुचोवणेंत विनिर्दिश्ट करीत अशा आडवादां सयत वा फेरबदलां सयत लागू जातलो आनी असो कसलोय निदेश पूर्वलक्षी प्रभावा सयत दिवं येता.]

[1][**12कक. संसदेचे कायदे आनी त्रिपुरा राज्याचें विधीमंडळ हांचे कायदे त्रिपुरा राज्यांतले स्वायत्त जिल्ले आनी स्वायत्त प्रदेश हांकां लागू.**—ह्या संविधानांत कितेंय आसलें तरी,—

(क) जांचे संबंदीं जिल्लो परिशदेच्यान वा प्रादेशीक परिशदेच्यान कायदे करूं येतात अशे विशय म्हूण हे अनुसुचीच्या परिच्छेद (3) हातूंत विनिर्दिश्ट केल्ल्यां भितरल्या कसल्याय विशया संबंदींचो त्रिपुरा राज्याच्या विधीमंडळाचो खंयचोय अधिनेम आनी गाळूंक नाशिल्ल्या मद्यार्कयुक्त सोऱ्याचें सेवन मना करपी व ताचेर निर्बंध घालपी [1]त्रिपुरा राज्याच्या विधीमंडळाचो कसलोय अधिनेम त्या राज्यांतल्या खंयच्याय स्वायत्त जिल्ल्याक वा स्वायत्त प्रदेशाक दर एका विशयांत अशा जिल्ल्याचे जिल्लो परिशदेन वा अशा प्रदेशाचेर अधिकारिताय आसपी जिल्लो परिशदेन जाहीर अधिसुचोवणे वरवीं तशें निदेशीत केल्या बगर, लागू जावचो ना, आनी खंयच्याच अधिनेमाचे बाबतींत असो निदेश दितना जिल्लो परिशदेच्यान अशें निदेशीत करूं येता की, अशा जिल्ल्याक वा प्रदेशाक वा ताच्या खंयच्याय भागाक लागू जातना तो अधिनेम तिका योग्य दिसतीत अशा आडवादां सयत वा फेरबदलां सयत परिणामक जातलो.

---

[1] परिच्छेद 12-कक संविधान (एकुणपन्नासावो बदल) अधिनेम, 1984, कलम 4 (1-4-1985 हे तारखे सावन लागू) आनी उपरांत संविधान (बदल) अधिनेम, 1988 (1988 चो 67 वो), कलम 2 (16-12-1988 हे तारखे सावन लागू) क जोडिल्ले सव्वे अनुसुची वरवीं निविश्ट केलो.

(ख) राज्यपालाच्यान जाहीर अधिसुचोवणे वरवीं अशें निदेशीत करूं येता की, जाका ह्या उप-परिच्छेदाच्या पोटकलम (क)चे उपबंध लागू जायनात असो संसदेचो वा [1]त्रिपुरा राज्याच्या विधीमंडळाचो खंयचोय अधिनेम, [त्या राज्यांतल्या] स्वायत्त जिल्ल्याक वा स्वायत्त प्रदेशाक लागू आसचो ना, वा अशा जिल्ल्याक वा प्रदेशाक वा ताच्या खंयच्याय भागाक तो अधिसुचोवणेंत विनिर्दिश्ट करीत अशा आडवादां सयत वा फेरबदलां सयत लागू जातलो.

(ग) राष्ट्रपतीच्यान, संसदेच्या कसल्याय अधिनेमाक धरून, अधिसुचोवणे वरवीं, तें त्रिपुरा राज्याच्या स्वायत्त जिल्ल्याक वा स्वायत्त प्रदेशाक, वा तें अशा जिल्ल्याक वा प्रदेशाक वा ताच्या खंयच्याय भागाक, अशा आडवादांक वा परिवर्तनांक धरून जशें तो अधिसुचोवणेंत स्पश्ट करीत, फाटले तारखे सावन लागू जातलें वा लागू जावचें ना.

**12ख. संसदेचे आनी मिझोराम केंद्रशासीत प्रदेश विधीमंडळाचे अधिनेम मिझोराम केंद्रशासीत प्रदेशांतल्या स्वायत्त जिल्ल्यांक आनी स्वायत्त प्रदेशांक लागू करप.**—ह्या संविधानांत कितेंय आसलें तरी,—

(क) हे अनुसुचीच्या परिच्छेद 3 चो उपपरिच्छेद (1) हातूंत विनिर्दिश्ट केल्ल्या खंयच्याय विशया संबंदीं मिझोराम केंद्रशासीत प्रदेशांतले जिल्लो परिशदेन वा प्रादेशीक परिशदेन केल्ल्या कायद्याचो खंयचोय उपबंध वा हे अनुसुचीचो परिच्छेद 8 वा परिच्छेद 10 हांचे खाला त्या केंद्रशासीत प्रदेशाच्या विधीमंडळान केल्ल्या कायद्याच्या खंयच्याय उपबंधाक प्रतिकूल आसत जाल्यार, जिल्लो परिशदेन केल्लो कायदो वा विनेम - मागीर तो मिझोराम केंद्रशासीत प्रदेशाच्या विधीमंडळान केल्ल्या कायद्याच्या खंयच्याय उपबंधाक प्रतिकूल आसत जाल्यार, जिल्लो परिशदेन, वा प्रादेशीक परिशदेन, जशें आसत तशें, केल्लो कायदो वा विनेम - मागीर तो मिझोराम केंद्रशासीत प्रदेशाच्या विधीमंडळान केल्लो कायदो चड प्रभावी थारतलो;

(ख) राष्ट्रपतीच्यान अधिसुचोवणे वरवीं संसदेच्या खंयच्याय अधिनेमा संबंदीं अशें निदेशीत करूं येता की, तो अधिनेम मिझोराम केंद्रशासीत प्रदेशांतल्या खंयच्याय स्वायत्त जिल्ल्याक वा स्वायत्त प्रदेशाक लागू आसचो ना, वा अशा जिल्ल्याक वा प्रदेशाक वा ताच्या खंयच्याय भागाक तो स्वता अधिसुचोवणेंत विनिर्दिश्ट करीत अशा आडवादां सयत वा फेरबदलां सयत लागू जातलो आनी असो कसलोय निदेश पूर्वलक्षी प्रभावा सयत दिवं येता;

(ग) राष्ट्रपतीच्यान, संसदेच्या कसल्याय अधिनेमाक धरून, अधिसुचोवणें वरवीं, तें मिझोराम राज्याच्या स्वायत्त जिल्ल्याक वा स्वायत्त प्रदेशाक, वा तें अशा जिल्ल्याक वा प्रदेशाक वा ताच्या खंयच्याय भागाक, अशा आडवादांक वा परिवर्तनांक धरून जशें तो अधिसुचोवणेंत स्पश्ट करीत, फाटले तारखे सावन लागू जातलें वा लागू जावचें ना.]]

**13. स्वायत्त जिल्ल्या संबंदींची अदमासीत जमा आनी खर्च वर्सुक्या वित्तीय विवरणपत्रांत वेगळेवेगळे दाखोवप.—**[1]***राज्याच्या एकवटीत निधींत जमा करपाच्यो वा तातूंतल्यान खर्च करपाच्यो आसतीत अशा रकमांचे स्वायत्त जिल्ल्या संबंदींचे अदमास पयलीं जिल्लो परिशदे मुखार चर्चे खातीर दवरतले आनी अशे चर्चे उपरांत, अनुच्छेद 202 खाला राज्याच्या विधीमंडळा मुखार दवरपाच्या राज्याच्या वर्सुक्या वित्तीय विवरणपत्रांत त्यो रकमो वेगळ्यो वेगळ्यो दाखयतले.

[2]**14. स्वायत्त जिल्ल्यांच्या आनी स्वायत्त प्रदेशांच्या प्रशासनाची चवकशी करपा खातीर आनी ते संबंदीं अहवाल दिवपा खातीर आयोगाची नेमणूक.—**(1) राज्यपालाच्यान खंयच्याय वेळार, राज्यांतल्या स्वायत्त जिल्ल्यांच्या आनी स्वायत्त प्रदेशांच्या प्रशासना संबंदीं ताणें विनिर्दिश्ट केल्ल्या, हे अनुसुचीच्या पोटकलम (ग), (घ), (ङ) आनी (च) हातूंत विनिर्दिश्ट केल्ल्या विशयां सयत खंयच्याय विशयाची तपासणी करून ताचे संबंदीं अहवाल दिवपा खातीर आयोगाची नेमणूक करूं येता. वा सर्वसादारणतायेन राज्यांतल्या स्वायत्त जिल्ल्यांचें आनी स्वायत्त प्रदेशांचें प्रशासन आनी विशेशतायेन,—

(क) अशा जिल्ल्यांतल्या आनी प्रदेशांतल्या शिक्षणीक आनी वैजकी सोंपेपणांची तरतूद आनी संप्रेशण;

(ख) अशा जिल्ल्यां संबंदीं आनी प्रदेशां संबंदीं कसल्याय नव्या आनी खाशेल्या विधीविधानाची गरज; आनी

(ग) जिल्लो आनी प्रादेशीक परिशदांनी केल्ले कायदे, नेम आनी विनेम हांचें प्रशासन;

हांची चवकशी करून तांचेर त्या-त्या वेळार अहवाल दिवपा खातीर आयोगाची नेमणूक करूं येता आनी अशा आयोगान आपणावपाची कार्यपद्दत निश्चीत करूं येता.

---

[1] हें उतर पुर्वोत्तर वाठार (फेररचणूक) अधिनेम, 1971 (1971 चो 81 वो), कलम 71(i) आनी आठवी अनुसुची (21-1-1972 हे तारखे सावन लागू) वरवीं “आसामचे” काडलें.

[2] परिच्छेद 14 आसाम राज्याक लागू करतना तो संविधान (बदल) अधिनेम, 1995 (1995 चो 42 वो), कलम 2 (12-9-1995 हे तारखे सावन लागू) वरवीं बदल केला, तो असोः-

‘परिच्छेद 14त, उप-परिच्छेद (2) तल्यान “ताचे संबंदींच्या त्या राज्यपालाच्या त्या शिफारशीं सयत” हीं उतरां काडलीं.

(2) अशा दर एका आयोगाचो अहवाल ताचे वांगडा ते संबंदीं राज्यपालान केल्ल्यो शिफारशी, [1][राज्याच्या सरकारान] ताचेर जी कारवाय करची अशें येवजिल्लें आसत तिचे विशींच्या स्पश्टीकरणात्मक निवेदना सयत संबंदीत मंत्र्या वरवीं राज्याच्या विधीमंडळा मुखार दवरतले.

(3) आपणाल्या मंत्र्यां भितर राज्याच्या सरकाराच्या कामाची वांटणी करतना, राज्यपालाच्यान खासा करून राज्यांतल्या स्वायत्त जिल्ल्यांच्या आनी स्वायत्त प्रदेशांच्या कल्याण कार्याचो प्रभार आपणाल्या मंत्र्यां भितरल्या कोणाय एकल्या कडेन दिवं येता.

[2]**15. जिल्लो आनी प्रादेशीक परिशदांच्या कृतींचें आनी थारावांचें शुन्यीकरण वा निलंबन.**—(1) जर जिल्लो वा प्रादेशीक परिशदेचे कसलेय कृतीक लागून वा थारावाक लागून भारताची सुरक्षीतताय संकश्टांत येवपाचो संभव आसा [3][वा भौशीक सुवेवस्थेक बाधा येवपाचो संभव आसा] अशी राज्यपालाची खात्री जाली जाल्यार, ताच्यान अशी कृती वा थाराव शून्य वा निलंबीत करूं येता आनी अशी कृती करपाक वा चालू उरपाक वा असो थाराव कार्यान्वीत करपाक प्रतिबंध करपा खातीर (परिशद निलंबीत करप आनी परिशदेचे ठांय विहीत आसतीत वा तिच्यान वापरपा सारके आसतीत ते सगले वा तातूंतले खंयचेय अधिकार स्वता कडेन घेवपा सयत) ताका गरजेच्यो दिसतीत अश्यो उपाय येवजण्यो करूं येतात.

(2) ह्या परिच्छेदाचो उप-परिच्छेद (1) हाचे वरवीं राज्यपालान केल्लो कसलोय आदेश, ताचे फाटल्या कारणां सयत जाता तितले बेगीन राज्याच्या विधीमंडळा मुखार दवरतले आनी तो आदेश राज्याच्या विधीमंडळान फाटीं घेतलो ना जाल्यार तो हे प्रमाणें दिलो ते तारखे सावन बारा म्हयन्यांच्या कालावधी मेरेन तसोच अंमलांत उरतलो:

ताका शर्त अशी कीं, राज्याच्या विधीमंडळा कडल्यान अशा आदेशाचो अंमल चालू दवरपाक मान्यताय दिवपी थाराव पास जायत जाल्यार आनी तशें जायत तेन्ना-तेन्ना तो आदेश, राज्यपालान फाटीं घेतलो ना जाल्यार, ह्या परिच्छेदा खाला हरशीं जे तारखेक तो जारी आसपाचें बंद जातलें आशिल्लें ते तारखे सावन फुडल्या बारा म्हयन्यांच्या कालावधी मेरेन तो तसोच अंमलांत उरतलो.

---

[1] पुर्वोत्तर वाठार (फेररचणूक) अधिनेम, 1971 (1971चो 81वो), कलम 71(i) आनी आठवी अनुसुची (21-1-1972 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "आसाम शासन" हे सुवातेर घालें.

[2] परिच्छेद 15 त्रिपुरा आनी मिझोराम राज्यांक लागू करतना तो संविधान (बदल) अधिनेम, 1988 (1988चो 67वो), कलम 2 (16-12-1988 हे तारखे सावन लागू) वरवीं जोडिल्ल्या सवे अनुसुची बदल केला, तो असोः-

परिच्छेद 15त, उप-परिच्छेद (2)त,—

'(क) आरंभाच्या परिच्छेदांत, "त्या राज्याच्या विधीमंडळान" ह्या उतरांचे सुवातेर "ताणें" हें उतर घालचें;

(ख) तें ताका शर्त अशी कीं काडचें.'

[3] आसाम फेररचणूक (मेघालय) अधिनेम, 1969 (1969चो 55वो), कलम 74 आनी चवथी अनुसुची (2-4-1970 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[1]**16. जिल्लो वा प्रादेशीक परिशदेचें विसर्जन.**—[2][(1)] हे अनुसुचीच्या परिच्छेद 14 खाला नेमिल्ल्या आयोगाचे शिफारशी वयल्यान राज्यपालाच्यान जाहीर अधिसुचोवणे वरवीं जिल्लो वा, प्रादेशीक परिशदेचे बरखास्तीचो आदेश दिवं येता, आनी—

(क) परिशदेचे फेररचणुके खातीर तत्काळ नव्यान सार्वत्रीक वेंचणूक घेवची अशें निर्देशीत करूं येता; वा

(ख) राज्याच्या विधीमंडळाचे पूर्वमान्यतायेचे अधीनतायेन बारा म्हयन्यां परस चड न्हय इतल्या कालावधी खातीर अशे परिशदेच्या अधिकारा खालच्या वाठारांचें प्रशासन स्वता कडेन घेवं येता वा अशा वाठारांचें प्रशासन उक्त परिच्छेदा खाला नेमिल्ल्या आयोगा कडेन वा ताका सुयोग्य दिसत अशा हेर खंयचेय संस्थे कडेन सोंपोवं येता:

ताका शर्त अशी कीं, जेन्ना ह्या परिच्छेदाच्या पोटकलम (क)) खाला आदेश दिल्लो आसत तेन्ना, नव्यान सार्वत्रीक वेंचणूक जावन परिशदेची फेररचणूक जायसर राज्यपालाच्यान संबंदीत वाठाराच्या प्रशासना संबंदीं ह्या परिच्छेदाच्या पोटकलम (ख) हातूंत निर्दिश्ट केल्ली कारवाय करूं येता:

ताका आनी शर्त अशी कीं, जिल्लो वा प्रादेशीक परिशदेक, जशें आसत तशें, राज्याच्या विधीमंडळा मुखार आपणाले विचार मांडपाची संद दिल्या बगर ह्या परिच्छेदाच्या पोटकलम (ख) खाला कसलीच कारवाय करूंक मेळची ना.

---

[1] परिच्छेद 16 त्रिपुरा आनी मिझोराम राज्यांक लागू करतना तो संविधान (बदल) अधिनेम, 1988 (1988 चो 67 वो), कलम 2 (16-12-1988 हे तारखे सावन लागू) क जोडिल्ले सवे अनुसुची वरवीं बदल केला, तो असोः-

'(क) उप-परिच्छेद (1)त, पोटकलम (ख)त आयिल्लीं "त्या राज्याच्या विधीमंडळाचे आदीं घेतिल्ले मान्यतायेचे अधीन" हीं उतरां, आनी दुसरें ताका शर्त अशी कीं हीं काडचीं;

(ख) उप-परिच्छेद (3) चे सुवातेर हो सकयल दिल्लो उप-परिच्छेद घालचो, तो असोः-

"(3) ह्या परिच्छेदाच्या उप-परिच्छेद (1) वा उप-परिच्छेद (2) खाला दिल्लो दर एक आदेश ताच्या कारणां सयत राज्याच्या विधीमंडळा मुखार दवरचो.".'.

[2] परिच्छेद 16 आसाम फेररचणूक (मेघालय) अधिनेम, 1969 (1969 चो 55वो), कलम 74 आनी चवथी अनुसुची (2-4-1970 हे तारखे सावन लागू) वरवीं ताचो उप-परिच्छेद म्हूण फेरअंकीकृत केलो.

[1][(2) जर खंयच्याय वेळार, स्वायत्त जिल्ल्याचें वा प्रदेशाचें प्रशासन हे अनुसुचीच्या उपबंधा प्रमाणें चलोवप जमना अशी परिस्थिती उप्रासल्या अशी राज्यपालाची खात्री जाली जाल्यार, ताच्यान जाहीर अधिसुचोवणे वरवीं स म्हयन्यां परस चड न्हय इतल्या कालावधी खातीर, जिल्लो परिशदेचे वा प्रादेशीक परिशदेचे ठांय, जशें आसत तशें, निहीत आशिल्ले वा तिका वापरूंक मेळत अशे सगले वा तातूंतले खंयचेय कार्याधिकार वा अधिकार स्वता कडेन घेवं येतात, आनी अशे कार्याधिकार वा अधिकार तो हे संबंदांत विनिर्दिश्ट करीत अशे व्यक्तीच्यान वा प्राधिकरणाच्यान वापरू येतात अशें घोशीत करूं येता:

ताका शर्त अशी कीं, प्रारंभीक आदेशाचें प्रवर्तन राज्यपालाच्यान फुडल्या आदेशां वरवीं दर खेपे स म्हयन्यां परस चड न्हय इतल्या कालावधीन वाडोवं येता.

(3) ह्या परिच्छेदाचो उप-परिच्छेद (2) हाचे खाला दिल्लो दर एक आदेश, ताच्या फाटल्या कारणां सयत राज्याच्या विधीमंडळा मुखार दवरतले आनी आदेश भायर सरल्या उपरांत राज्याच्या विधीमंडळाची जेन्ना पयलेच फावटीं सभा भरतली ते तारखे सावन तीस दीस सोंपना फुडें तो जारी आसपाचें बंद जातलें, मात तो कालावधी सोंपचे पयलीं राज्याच्या विधीमंडळान ताका मान्यताय दिल्या आसत जाल्यार बाब वेगळी.]

[2]**17. स्वायत्त जिल्ल्यांनी मतदारसंघ घडयतना अशा जिल्ल्यांतल्यान वाठारांची भायरावणी.**— [3][आसाम वा मेघालयाचे विधानसभेच्या] [4][वा त्रिपुरा] [5][वा मिझोराम], विधानसभेच्या वेंचणुकांच्या प्रयोजना खातीर राज्यपालाच्यान, आदेशा वरवीं, स्वायत्त जिल्ल्यांतलो खंयचोय वाठार [6][आसाम वा मेघालय राज्यांत [4][वा त्रिपुरा] [5][वा मिझोराम], जशें आसत तशें] तसल्या खंयच्याय जिल्ल्या पासत विधानसभेंतले राखीव जागे भरूंक खंयच्याच मतदारसंघाचो वांटो जावचे नात, पूण विधानसभेंत आरक्षीत नाशिल्लो/ल्ले एक जागो वा जागे जांचे विशीं आदेशांत विनिर्दिश्ट करतले ते प्रमाणें, तो/ते भरूंक खंयच्याय मतदारसंघाचो वांटो जावं येतात, अशें जाहीर करूंक जाता.

[7][**18.*** * * * *]

---

[1] आसाम फेररचणूक (मेघालय) अधिनेम, 1969 (1969 चो 55 वो), कलम 74 आनी चवथी अनुसुची (2-4-1970 हे तारखे सावन लागू) वरवीं जोडलें.

[2] परिच्छेद 17 आसाम राज्याक लागू करतना संविधान (बदल) अधिनेम, 2003 (2003 चो 44 वो), कलम 2 (7-9-2003 हे तारखे सावन लागू) क जोडिल्ले सवे अनुसुची वरवीं, सकयल दिल्लें ताका शर्त अशी कीं निविश्ट करपा पासत बदल केला, जें ताका शर्त अशी कीं अशें आसाः-

"शर्त अशी कीं ह्या परिच्छेदांतलें कांयच बोडोलॅण्ड राज्यक्षेत्रीय वाठार जिल्ल्याक लागू जावचें ना."

[3] पुर्वोत्तर वाठार (फेररचणूक) अधिनेम, 1971 (1971 चो 81 वो), कलम 71 (i) आनी आठवी अनुसुची (21-1-1972 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "आसामची विधानसभा" चे सुवातेर घालें.

[4] संविधान (एकुणपन्नासावो बदल) अधिनेम, 1984 कलम 4 (1-4-1985 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[5] मिझोराम राज्य अधिनेम, 1986 (1986 चो 34 वो), कलम 39 (20-2-1987 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[6] पुर्वोत्तर वाठार (फेररचणूक) अधिनेम, 1971 (1971 चो 81 वो), कलम 71 (i) आनी आठवी अनुसुची (21-1-1972 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "आसाम ची विधानसभा" चे सुवातेर निविश्ट केलें.

[7] परिच्छेद 18 हो कलम 71 (i) आनी आठवी अनुसुची, कित्तो (21-1-1972 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलो.

[1]**19. संक्रमणी उपबंध.**—(1) हें संविधान सुरू जातकूच जाता तितले बेगीन, हे अनुसुची खाला राज्यांतल्या दर एका स्वायत्त जिल्ल्या खातीर एक जिल्लो परिशद घडोवंक राज्यपाल पावलां उबारतलो आनी खंयच्याय स्वायत्त जिल्ल्या खातीर अशी जिल्लो परिशद घडयत मेरेन, अशा जिल्ल्याचे प्रशासनाधिकार, राज्यपालाचे ठांय विहीत आसतले, आनी अशा जिल्ल्यांतल्या वाठारांच्या प्रशासनाक हे अनुसुचीच्या पूर्वगामी उपबंधांचे सुवातेर फुडले उपबंध लागू जातले, ते अशे:—

(क) संसदेचो वा राज्य विधीमंडळाचो खंयचोच अधिनेम, राज्यपालान भौशीक अधिसुचोवणे वरवीं निदेशीत केल्या बगर असल्या खंयच्याच वाठाराक लागू जावचो ना; आनी राज्यपालान खंयच्याय अधिनेमा संबंदीं असो निदेश दितना, अशें निदेशीत करूं येता की तो अधिनेम त्या वाठारांत वा ताच्या खंयच्याय विनिर्दिश्ट भागाक लागू जातना, तो अधिनेम ताका योग्य दिसतीत त्या आडवादां सयत वा फेरबदलां सयत परिणामक जातलो.

(ख) अशा खंयच्याय वाठारांनी शांतताय उरची आनी बरें शासन चलचें हे खातीर राज्यपालाच्यान विनेम करूं येतात आनी अशा केल्ल्या कसल्याय विनेमां वरवीं, अशा वाठाराक त्या विशिश्ट काळांत लागू आसत असो संसदेचो वा राज्य विधीमंडळाचो खंयचोय अधिनेम वा विद्यमान आशिल्लो खंयचोय कायदो निरसीत करूं येता वा तातूंत बदल करूं येता.

(2) राज्यपालान ह्या परिच्छेदाच्या उप-परिच्छेद (1) च्या पोटकलम (क) खाला दिल्लो कसलोय निर्देश पूर्वलक्षी प्रभावान दिवं येता.

---

[1] परिच्छेद 19 आसाम राज्याक लागू करतना संविधान (बदल) अधिनेम, 2003 ( 2003 चो 44 वो), कलम 2 (7-9-2003 हे तारखे सावन लागू) क जोडिल्ले सवे अनुसुची वरवीं, उप-परिच्छेद (3) उपरांत सकयल दिल्लो उप-परिच्छेद निविश्ट करपा पासत बदल केलो, तो उप-परिच्छेद असोः-

'(4) ह्या अधिनेमाचो आरंभ जातकूच जाता तितले बेगीन त्या राज्यपालान तंटो मिटोवपाचे कबलातीच्या निशाणीदारांक आसपावन बोडो आंदोलनाच्या फुडाऱ्यांतल्यांक घेवन आसामांतल्या बोडोलॅण्ड राज्यक्षेत्रीय वाठार जिल्ल्याखातीर अंतरीम कार्यकारी मंडळ घडोवन त्या वाठारांतल्या गैरआदिवासी समुदायांक पर्याप्त प्रतिनिधीत्वाचो उपबंध करचो:

शर्त अशी कीं अंतरीम मंडळ स म्हयन्यांच्या काळाखातीर आसतलें, जातूंत मंडळाची वेंचणूक घेवपाचो यत्न करतले.

*फोडणिशी*.- ह्या उप-परिच्छेदाच्या उद्दिश्टां खातीर "तंटो मिटोवपाची कबलात" म्हणचे 10 फेब्रुवारी, 2003 ह्या दिसा भारत सरकार, आसाम शासन आनी बोडो लिबरेशन टायगर्स् हांचेमदीं निशाण्यो जाल्ली कबलात. '.

(3) ह्या परिच्छेदाचो उप-परिच्छेद (1) हाचें पोटकलम (ख) हाचे खाला केल्ले सगले विनेम तत्काळ राष्ट्रपती मुखार दवरतले आनी, तो तांकां अनुमती दीत मेरेन, ते परिणामक जावचे नात.

[1][**20. आदिवासी वाठार.**—(1) फुडल्या तकट्यांतलो भाग I, II, [2]आनी III हातूंत विनिर्दिश्ट केल्ले वाठार हे अनुक्रमान आसाम राज्य, मेघालय राज्य [2][, त्रिपुरा राज्य] आनी मिझोराम [3][राज्य] हातूंतले आदिवासी वाठार जातले.

(2) [4][फुडल्या तकट्यांतल्या भाग I, भाग II, वा भाग III] हातूंतल्या खंयच्याय जिल्ल्या संबंदींच्या निर्देशाचो अर्थ पुर्वोत्तर वाठार (पुनर्रचना) अधिनेम, 1971 – कलम 2 – पोटकलम (ख) खाला नियत केल्ले तारखेचे निकटपूर्व विद्यमान आशिल्ल्या, त्या नांवाच्या स्वायत्त जिल्ल्यांत आसपावीत आशिल्ल्या राज्यक्षेत्रा संबंदींचो निर्देश, असो लायतले:

ताका शर्त अशी कीं, हे अनुसुचीचो परिच्छेद (3 )–उप-परिच्छेद (1) - पोटकलम (ङ) आनी (च), परिच्छेद (4), परिच्छेद (5), परिच्छेद (6), परिच्छेद (8) हाचो उप-परिच्छेद (2), उप-परिच्छेद (3), पोटकलम (क), (ख) आनी (शिलाँगाच्या नगरपालिका वाठारांत आसपावीत आशिल्ल्या त्या-त्या वाठाराचो खंयचोय भाग [5][खासी-जैतियां दोंगरी जिल्ल्यांत] येतात अशें मानचे नात.

[2][(3) सकयल्या तकट्यांतल्या भाग II(क)तलो "त्रिपुरा आदिवासी वाठार जिल्लो" हो त्रिपुरा आदिवासी वाठार स्वायत्त जिल्लो परिशद अधिनेम, 1979चे पयले अनुसुचींत स्पश्ट केल्ल्या आदिवासी वाठाराचो आसपाव आशिल्ल्या राज्यक्षेत्राचो उल्लेख अशें मानतले.]

---

[1] परिच्छेद 20 आनी 20 क हांचे सुवातेर पुर्वोत्तर वाठार (फेररचणूक) अधिनेम, 1971 (1971 चो 81 वो), कलम 71 ( i) आनी आठवी अनुसुची (21-1-1972 हे तारखे सावन लागू) वरवीं घालें आनी केंद्रशासीत प्रदेश शासन (बदल) अधिनेम, 1971 (1971 चो 83 वो) कलम 13 ( 29-4-1972 हे तारखे सावन लागू) वरवीं परिच्छेद 20 क चे सुवातेर आनीक घालें.

[2] संविधान (एकुणपन्नासावो बदल) अधिनेम, 1984, कलम 4 ( 1-4-1985 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[3] "केंद्रशासीत प्रदेश" चे सुवातेर मिझोराम राज्य अधिनेम, 1986 (1986 चो 34 वो), कलम 39 (20-2-1987 हे तारखे सावन लागू) वरवीं घालें.

[4] "सकयल दिल्ल्या तकट्यांतलो खंयचोय संदर्भ" चे सुवातेर संविधान (एकुणपन्नासावो बदल) अधिनेम, 1984, कलम 4 (1-4-1985 हे तारखे सावन लागू) वरवीं घालें.

[5] 14 जून, 1973ची मेघालय शासन अधिसुचोवणी क्र. DCA 31/72/11, 23-6-1973 तारखेचें मेघालयाचें राजपत्र, Pt. VA, पान 200 वरवीं घालें.

(सवी अनुसुची)

तकटो

**भाग I**

1. उत्तर काछार दोंगरी जिल्लो.
2. [1][मिकिर दोंगरी जिल्लो.]
[2][3. बोडोलॅण्ड प्रादेशीक वाठार जिल्लो.]

**भाग II**

[3][1. खासी दोंगरी जिल्लो.
2.जैंतिया दोंगरी जिल्लो.]
3. गारो दोंगरी जिल्लो.

**[4][भाग IIक]**

त्रिपुरा आदिवासी वाठार जिल्लो]

**भाग III**

[5]* * * *

[6][1. चकमा जिल्लो.
[7][2. मारा जिल्लो.
3. लाई जिल्लो.]]

[8][**20क. मिझो जिल्लो परिशदेची बरखास्ती.**—(1) हे अनुसुचींत कितेंय आसलें तरी, विहीत तारखेचे निकटपूर्व विद्यमान मिझो जिल्ल्याची जिल्लो परिशद (हातूंत हे फुडें 'मिझो जिल्लो परिशद' म्हूण निर्देशिल्ली) बरखास्त जातली आनी अस्तित्वांत आसपाचें बंद जातलें.

---

[1] "मिकिर पर्वती जिल्लो" चे सुवातेर 14-10-1976 तारखेची आसाम शासनाची अधिसुचोवणी क्र. TAD/R/115/74/47 वरवीं घालें.

[2] संविधान (बदल) अधिनेम, 2003 (2003 चो 44 वो), कलम 2 (7-9-2003 हे तारखे सावन लागू)क जोडिल्ले सवे अनुसुची वरवीं निविश्ट केलें.

[3] 14 जून, 1973 हे तारखेची मेघालय शासनाची अधिसुचोवणी क्र. DCA 31/72/11, 23-6-1973 हे तारखेचें मेघालयाचें राजपत्र Pt. VA, पान 200 वरवीं घालें.

[4] संविधान (एकुणपन्नासावो बदल) अधिनेम, 1984, कलम 4 (1-4-1985 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[5] "मिझो जिल्लो." हीं उतरां केंद्रशासीत प्रदेश (बदल) अधिनेम, 1971 (1971 चो 83 वो), कलम 13 (16-2-1972 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलीं.

[6] 5 मे, 1972 हे तारखेचें मिझोराम राजपत्र, 1972, Vol. I, Pt. II, पान 17 हातूंत मिझोराम जिल्लो परिशदो (संकीर्ण उपबंध) आदेश, 1972 (29-4-1972 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[7] अनुक्रमांक 2 आनी 3 आनी तांकां संबंदीत नोंदी हांचे सुवातेर संविधान (बदल) अधिनेम, 1988 (1988 चो 67 वो), कलम 2 (16-12-1988 हे तारखे सावन लागू) वरवीं घालें.

[8] परिच्छेद 20 चे सुवातेर पुर्वोत्तर वाठार (फेररचणूक) अधिनेम, 1971 (1971 चो 81 वो), कलम 71 (i) आनी आठवी अनुसुची (21-1-1972 हे तारखे सावन लागू) वरवीं घालें आनी परतेंय परिच्छेद 20 क चे सुवातेर केंद्रशासीत प्रदेश शासन (बदल) अधिनेम, 1971 (1971 चो 83 वो), कलम 13 (16-2-1972 हे तारखे सावन लागू) वरवीं घालें.

(2) मिझोराम ह्या केंद्रशासीत प्रदेशाच्या प्रशासकाच्यान एका वा चड आदेशां वरवीं फुडल्या सगल्या वा तातूंतल्या खंयच्याय विशया खातीर उपबंध करूं येतात, ते अशे:—

(क) मिझो जिल्लो परिशदेची मत्तां, अधिकार आनी दायित्वां (तिणें केल्ले खंयचेय संविदे खालच्या अधिकारां आनी दायित्वां सयत) संघराज्या भायर खंयच्याय प्राधिकरणा कडेन पुरायेन वा अंशतायेन हस्तांतरीत करप;

(ख) मिझो जिल्लो परिशद जातूंत पक्षकार आसत अशे खंयचेय वैध कार्यवाहेंत एक पक्षकार म्हूण मिझो जिल्लो परिशदेचे सुवातेर संघराज्य वा हेर खंयचेंय प्राधिकरण हाडप, वा तिचे जोडयेक संघराज्य वा हेर खंयचेंय प्राधिकरण सामील करप:

(ग) मिझो जिल्लो परिशदेच्या कर्मचाऱ्यांची संघराज्या कडेन वा हेर खंयच्याय प्राधिकरणा कडेन बदली जावप वा संघराज्यान वा त्या प्राधिकरणान त्या कर्मचाऱ्यांक परतून सेवेंत घेवप, अशे बदले उपरांत वा पुनःसेवा येवजणे उपरांत अशा कर्मचाऱ्यांक लागू आसतीत अश्यो सेवेच्यो शर्ती आनी अटी;

(घ) मिझो जिल्लो परिशदेन केल्ले आनी तिच्या बरखास्तीचे निकटपूर्व अंमलांत आशिल्ले कसलेय कायदे सक्षम विधीमंडळा कडल्यान वा हेर सक्षम प्राधिकरणा कडल्यान बदलप, निरसीत करप वा बदलप जायसर, प्रशासक हे संबंदीं करीत अशा अनुकुलनां सयत आनी फेरबदलां सयत - मागीर अशीं अनुकुलनां वा फेरबदल निरसन म्हूण केल्लीं आसूं वा बदल म्हूण केल्लीं आसूं – अशे कायदे चालू दवरप;

(ङ) प्रशासकाक गरजेचे दिसतीत असो अनुशंगीक, परिणामी आनी पुरक विशय.

*फोडणिशी.*—ह्या परिच्छेदांत आनी हे अनुसुचीच्या परिच्छेद 20ख हातूंत 'विहीत तारीख' ह्या उतरांचो अर्थ, 'केंद्रशासीत प्रदेशांचें शासन अधिनेम, 1963' हाच्या उपबंधा खाला आनी ताचे प्रमाणें ह्या सगल्या केंद्रशासीत प्रदेशाची विधानसभा जे तारखेक रीतसर घडीत केल्ली ती तारीख अशी आसा.]

[1][**20ख. मिझोराम ह्या केंद्रशासीत प्रदेशांतलो स्वायत्त प्रदेश हे स्वायत्त जिल्ले आसप आनी ताच्या अनुशंगान करपाचे अशे संक्रमणी उपबंध.**—(1) हे अनुसुचींत कितेंय आसपावीत आसलें तरी,—

(क) विहीत तारखेचे निकटपूर्व मिझोराम ह्या केंद्रशासीत प्रदेशांत विद्यमान दर एक स्वायत्त प्रदेश ते तारखेक आनी तेन्ना सावन त्या केंद्रशासीत प्रदेशांतलो एक स्वायत्त जिल्लो (हे फुडें 'समनुरूप नवो जिल्लो' म्हूण निर्देशिल्लो) जातलो आनी ताच्या प्रशासकाच्यान एका वा चड आदेशां वरवीं, ह्या पोटकलमाचे उपबंध कार्यान्वीत करपा खातीर गरजेचे आसतीत अशे परिणामी बदल हे अनुसुचीच्या परिच्छेद 20 हातूंत (ह्या परिच्छेदाक जोडिल्ल्या तकट्याच्या 3ऱ्या भागा सयत) करचे असो निदेश दिवं येता आनी ते उपरांत उक्त परिच्छेद आनी उक्त 3रो भाग हे ते प्रमाणें बदल्ल्यात अशें मानतले;

[1] परिच्छेद 20क हाचे सुवातेर केंद्रशासीत प्रदेशाचें सरकार (बदल) अधिनेम, 1971 (1971चो 83वो), कलम 13 (16-2-1972 हे तारखे सावन लागू) वरवीं घालें.

(ख) विहीत तारखेचे निकटपूर्व विद्यमान, मिझोराम ह्या केंद्रशासीत प्रदेशांतली स्वायत्त प्रदेशाची दर एक प्रादेशीक परिशद ही (हे फुडें 'वर्तमान प्रादेशीक परिशद' म्हूण निर्देशिल्ली) ते तारखेक आनी तेन्ना सावन आनी समनुरूप नव्या जिल्ल्या खातीर जिल्लो परिशद रीतसर घडीत जायसर त्या जिल्ल्याची जिल्लो परिशद (हे फुडें 'समनुरूप नवी जिल्लो परिशद' म्हूण निर्देशिल्ली) आसा अशें मानतले.

(2) विद्यमान प्रादेशीक परिशदेचो दर एक वांगडी हो - मागीर तो वेंचून आयिल्लो आसूं वा नामनिर्देशीत केल्लो आसूं- समनुरूप नवे जिल्लो परिशदेचेर वेंचून आयला अशें वा नामनिर्देशीत केला अशें, जशें आसत तशें, मानतले आनी तो हे अनुसुची खाला समनुरूप नव्या जिल्ल्या खातीर जिल्लो परिशद रीतसर घडीत करून जायसर अधिकारपद धारण करतलो.

(3) समनुरूप नवे जिल्लो परिशदे कडल्यान हे अनुसुचीच्या परिच्छेद (4) चो उप-परिच्छेद (4) हाच्या खाला नेम करून जायसर, वर्तमान प्रादेशीक परिशदेन उक्त उपबंधा खाला केल्ले आनी विहीत तारखेचे निकटपूर्व अंमलांत आशिल्ले नेम मिझोराम केंद्रशासीत प्रदेशाचो प्रशासक तातूंत करीत अशा अनुकुलनां सयत आनी फेरबदलां सयत समनुरूप नवे जिल्लो परिशदेच्या संबंदांत परिणामक जातले.

(4) मिझोराम ह्या केंद्रशासीत प्रदेशाच्या प्रशासकाच्यान एका वा चड आदेशां वरवीं फुडल्या सगल्या वा तांचे मदल्या खंयच्याय विशया खातीर उपबंध करूं येता:—

(क) विद्यमान प्रादेशीक परिशदेची मत्ता, अधिकार आनी दायित्वां (तिणें केल्ले कसलेय संविदे खालचे अधिकार आनी दायित्व हांचे सयत) समनुरूप नवी जिल्लो परिशदे कडेन पुरायेन वा अंशतायेन हस्तांतरीत करप;

(ख) विद्यमान प्रादेशीक परिशद जातूंत पक्षकार आसत वा अशे कायदेशीर कार्यवाहेंत एक पक्षकार म्हूण वर्तमान प्रादेशीक परिशदेचे सुवातेर समनुरूप नवी जिल्लो परिशद हाडप;

(ग) विद्यमान प्रादेशीक परिशदेच्या खंयच्याय कर्मचाऱ्यांची समनुरूप नवे जिल्लो परिशदे कडेन बदली जावप वा तिणें त्या कर्मचाऱ्यांक नव्यान परतून सेवेंत घेवप, अशे बदले उपरांत वा पुनःसेवा येवजणे उपरांत अश्या कर्मचाऱ्यांक लागू आसतीत अश्यो सेवेच्यो शर्ती आनी अटी;

(घ) विद्यमान प्रादेशीक परिशदेन केल्ले आनी विहीत तारखेचे निकटपूर्व अंमलांत आशिल्ले कसलेय कायदे सक्षम विधीमंडळा कडल्यान वा हेर सक्षम प्राधिकरणा कडल्यान बदलप, निरसीत करप वा सुदारप जायसर, प्रशासक हे संबंदीं करीत अशा अनुकुलनां सयत आनी फेरबदलां सयत – मागीर अशीं अनुकुलनां वा फेरसुदारणा निरसन म्हूण केल्लीं आसूं वा बदल म्हूण केल्लीं आसूं, अशे कायदे चालू दवरप;

(ङ) प्रशासकाक गरजेचे दिसतीत अशे अनुशंगीक, परिणामी आनी पूरक विशय.]

[1][**20खक. राज्यपाला कडल्यान आपलीं कार्यां करतना स्वेच्छाधिकारी अधिकारांचो वापर.**— राज्यपाल, आपल्या कार्यांक पाळो दितना, हे अनुसुचीच्या परिच्छेद 1 चो उप-परिच्छेद (2) आनी (3), उप-परिच्छेद (1), (6), उप-परिच्छेद (6क), परिच्छेद 2चें पयलें परंतुक आनी उप-परिच्छेद (7) वगळावून, परिच्छेद 3 चो उप-परिच्छेद (3), परिच्छेद 4 चो उप-परिच्छेद (4), परिच्छेद 5, परिच्छेद 6 चो उप-परिच्छेद (1), परिच्छेद 7 चो उप-परिच्छेद (2), परिच्छेद 8 चो उप-परिच्छेद (4), परिच्छेद 9 चो उप-परिच्छेद (3), परिच्छेद 10 चो उप-परिच्छेद (3), परिच्छेद 14 चो उप-परिच्छेद (1), परिच्छेद 15 चो उप-परिच्छेद (1), परिच्छेद 16 चो उप-परिच्छेद (1) आनी (2) हांच्या खाला, मंत्रीमंडळा कडेन आनी उत्तर काछार र दोंगुल्ल्यो स्वायत्त मंडळ वा कार्बी आंगलाँग स्वायत्त मंडळ हांचे मदलें, जशें आसत तशें, हांचे कडेन सल्लो मसलत करून, ताका योग्य दिसता ती कृती आपल्या स्वेच्छाधिकारांत करतलो.]

[2][**20खख. राज्यपाला कडल्यान आपल्या कार्यांक पाळो दितना स्वेच्छाधिकारांचो वापर.**— राज्यपाल आपल्या कार्यांक पाळो दितना, हे अनुसुचीच्या परिच्छेद 1 चो उप-परिच्छेद (2) आनी (3), परिच्छेद 2 चो उप-परिच्छेद (1) आनी (7), परिच्छेद 3चो उप-परिच्छेद (3), परिच्छेद 4चो उप-परिच्छेद (4), परिच्छेद 5, परिच्छेद 6 चो उप-परिच्छेद (1), परिच्छेद 7 चो उप-परिच्छेद (2), परिच्छेद 9 चो उप-परिच्छेद (3), परिच्छेद 14 चो उप-परिच्छेद (1), परिच्छेद 15चो उप-परिच्छेद (1) आनी परिच्छेद 16चो उप-परिच्छेद (1) आनी (2) हांच्या खाला, मंत्रीमंडळा कडेन आनी ताका योग्य दिसता जाल्यार संबंदीत जिल्लो परिशद वा प्रादेशीक परिशदे कडेन सल्लो मसलत करून आपल्या स्वेच्छाधिकारान गरजेच्यो दिसतात त्यो कृती करतलो.]

---

[1] संविधान (बदल) अधिनेम, 1995 (1995चो 42वो), कलम 2 (12-9-1995 हे तारखे सावन लागू) वरवीं परिच्छेद 20-खक आसाम राज्याक लागू जातना निविश्ट केलो.

[2] संविधान (बदल) अधिनेम, 1988 (1988चो 67वो), कलम 2 (16-12-1988 हे तारखे सावन लागू) वरवीं परिच्छेद 20-खख त्रिपुरा आनी मिझोराम राज्यांक लागू जातना निविश्ट केलो.

[1][**20ग. अर्थावणी.**—हे संबंदांत केल्ल्या कसल्याय उपबंधांचे अधीनतायेन, हे अनुसुचीचे उपबंध मिझोराम ह्या केंद्रशासीत प्रदेशाक लागू जातना, अशे तरेन परिणामक जातले की —

(1) जशे परीं राज्यपाल आनी राज्याचें सरकार हांचे संबंदींचे उल्लेख म्हणल्यार अनुच्छेद 239 खाला नेमिल्ल्या केंद्रशासीत प्रदेशाच्या प्रशासकाचे उल्लेख आशिल्ले, राज्या संबंदींचे उल्लेख ('राज्याचें सरकार' हे उक्तींतलो सोडून) म्हणल्यार मिझोराम ह्या केंद्रशासीत प्रदेशा संबंदींचे उल्लेख आनी राज्य विधीमंडळा संबंदींचे उल्लेख म्हणल्यार मिझोराम ह्या केंद्रशासीत प्रदेशाचे विधानसभे संबंदींचे उल्लेख;

(2) जशे परीं—

(क) परिच्छेद (4) चो उप-परिच्छेद (5) हातूंत संबंदीत राज्याच्या सरकाराचो विचार घेवपा संबंदींचो उपबंध काडला;

(ख) परिच्छेद 6 चो उप-परिच्छेद (2) हातूंत 'राज्याच्या शासनाधिकाराचे व्याप्तेंत येता आसत अशी' ह्या मजकुराचे सुवातेर 'मिझोराम ह्या केंद्रशासीत प्रदेशाचे विधानसभेक जाच्या संबंदांत कायदे करपाचो अधिकार आसत अशी' हो मजकूर घेतला;

(ग) परिच्छेद 13 हातूंत अनुच्छेद 202 खाला'हो मजकूर काडला.]

**21. अनुसुचींत बदल.**—(1) संसदेच्यान हे अनुसुचींत आशिल्ल्यां मदलो खंयचोय उपबंध कायद्या वरवीं त्या-त्या वेळार तातूंत भर घालून, बदल करून वा निरसन करून ते वरवीं बदल करूं येता आनी, जेन्ना ते अनुसुचींत हे प्रमाणें बदल जातलो तेन्ना, हे अनुसुची संबंदीं ह्या संविधानांत आशिल्ल्या खंयच्याय उल्लेखाचो अर्थ हे प्रमाणें बदल जाल्ले अशे अनुसुची संबंदींचो उल्लेख असो लायतले.

(2) ह्या परिच्छेदाचो उप-परिच्छेद (1) हातूंत उल्लेखिल्लो असो खंयचोय कायदो हो, अनुच्छेद 368 च्या प्रयोजना खातीर ह्या संविधानाचो बदल आसा अशें मानचे नात.

---

[1] परिच्छेद 20क हाचे सुवातेर केंद्रशासीत प्रदेशाचें सरकार (बदल) अधिनेम, 1971 (1971 चो 83वो), कलम 13 (16-2-1972 हे तारखे सावन लागू) वरवीं घालें.

# सातवी अनुसुची

# [कलम 246]

## वळेरी I—संघराज्य वळेरी

1. भारत आनी ताचो दर एक भाग हांचें संरक्षण सिद्धताये सयत संरक्षण आनी झुजा काळांत झूज चालू दवरपाक आनी तें सोंपल्या उपरांत परिणामकारक रितीन सैन्यविसर्जन करपाक साधक जातल्यो अश्या सगल्या कृतीं सयत.

2. नौदळ, भूदळ, हवाई दळ, संघराज्याचें हेर खंयचेंय सशस्त्र दळ.

[1][2क. संघराज्याचें खंयचेंय सशस्त्र दळ वा संघराज्याच्या नियंत्रणाधीन आशिल्लें हेर खंयचेंय दळ वा ताची खंयचीय तुकडी वा पथक खंयच्याय राज्यांत नागरी सत्तेच्या आदारा खातीर प्रतियोजीत करप, हे प्रमाणें प्रतियोजन केल्लें आसतनाच्या काळांतले अशा दळांच्या वांगड्यांचे अधिकार, न्यायाधिकारिताय, विशेशाधिकार आनी दायित्वां.]

3. छावणी वाठारांचें परिसीमन, अश्या वाठारांतल्यो थळाव्यो स्वराज्य संस्था, छावणी प्राधिकरणां हांची घडण आनी अश्या वाठारांतले तांचे अधिकार, आनी अश्या वाठारांतले तांचे राबितो वेवस्थेचें (भाडें नियंत्रणा सयत) विनेमन.

4. नौसैनिकी, भूसैनिकी आनी वायूसैनिकी कामां.

5. शस्त्रां, अग्निशस्त्रां, दारूगुळो आनी स्फोटक जिनस.

6. अणूउर्जा आनी तिच्या उत्पादनाक गरजेची आशिल्ली खनीज साधनसंपत.

7. संसदेन कायद्यां वरवीं संरक्षणाच्या प्रयोजना खातीर वा झूज चालू दवरपा खातीर गरज आसा अशें घोशीत केल्ले उद्देगधंदे.

8. केंद्रीय गुप्तवार्ता आनी सोद तपास केंद्र.

9. संरक्षण, विदेश वेव्हार वा भारताची सुरक्षीतताय हांकां संबंदीत कारणां खातीर प्रतिबंधक स्थानबद्धताय, अशे स्थानबद्धतायेंत दवरिल्ल्यो व्यक्ती.

10. विदेश वेव्हार, जांकां लागून संघराज्याचो खंयच्याय परकी देशा कडेन संबंद येता अश्यो सगल्यो बाबी.

11. राजदौतीक, वाणिज्यदौतीक आनी वेपारी प्रतिनिधित्व.

12. संयुक्त राष्ट्र संघटणा.

13. आंतरराष्ट्रीय परिशदो, अधिसंघ, आनी हेर संस्था हातूंत सहभागी जावप आनी थंय जाल्ल्या निर्णयांची अंमलबजावणी करप.

14. विदेशां कडेन कबलाती आनी करार करप तशेंच विदेशां कडेन केल्ल्यो कबलाती, केल्ले करार आनी संकेत हांची अंमलबजावणी करप.

---

[1] संविधान (बेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1976, कलम 57 (3-1-1977 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

15. झूज आनी शांतताय.

16. विदेश विशयक अधिकारिताय.

17. नागरिकत्व, नागरिकीकरण आनी अन्यदेशी व्यक्ती.

18. प्रत्यर्पण.

19. भारतांत प्रवेश दिवप, आनी थंयच्यान उत्प्रवासन तशेंच हद्दपारी; पारपत्रां आनी प्रवेशपत्रां.

20. भारता भायल्या थळांच्यो तीर्थयात्रा.

21. उकत्या दर्यांत वा हवेंत केल्ली चांचेगिरी आनी गुन्यांव, भुंयेचेर वा उक्त्या दर्यांत वा हवेंत आंतरराष्ट्रीय कायद्या आड केल्ले गुन्यांव.

22. रेल्वे.

23. संसदेन केल्ल्या कायद्या वरवीं वा ताचे खाला राष्ट्रीय म्हामार्ग आसात अशें घोशीत केल्ले म्हामार्ग.

24. यंत्रचालीत जलयाना संबंदीं संसदेन कायद्यां वरवीं राष्ट्रीय जलमार्ग आसात अशें घोशीत केल्ल्या अन्तर्देशी जलमार्गां वयलें नौपरिवहन आनी नौकानयन; अशा जलमार्गां वयलें मार्गनेमन.

25. सागरी नौपरिवहन आनी नौकानयन – समुद्री नौपरिवहन आनी नौकानयन हांचे सयत, वेपारी नाविकांच्या शिक्षणाची आनी प्रशिक्षणाची सोय आनी राज्य सरकारां तशेंच हेर संस्था हांचे कडल्यान दितात त्या शिक्षणाचें आनी प्रशिक्षणाचें विनेमन.

26. दिव्या-घरां – प्रकाशनौका, संकेत-दीप आनी नौपरिवहन तशेंच विमानां हांचे सुरक्षीततताये खातीर हेर उपबंध हांचे सयत.

27. संसदेन केल्लो कायदो वा विद्यमान कायदो हांचे वरवीं वा ते खाला व्हडलीं बंदरां आसात अशें घोशीत केल्लीं बंदरां – तांचें परिसीमन हांचे सयत; आनी तातूंतल्या बंदर प्राधिकरणांची घडण आनी तांचे अधिकार.

28. बंदरा वयलो पृथक्वास – ताचे कडेन संलग्न आशिल्लीं हॉस्पिटलां हांचे सयत, खलाशांचीं आनी सागरी हॉस्पिटलां.

29. हवाईमार्ग, विमानां आनी वायुयान चालन, विमानतळांची सोय; हवाई येरादारी आनी विमानतळ हांचे विनेमन आनी सुरळीत वेवस्था; विमानसेवेच्या शिक्षणाची आनी प्रशिक्षणाची सोय आनी राज्य सरकारां तशेंच हेर संस्था दितात त्या शिक्षणाचें आनी प्रशिक्षणाचें विनेमन.

30. रेल्वे-मार्गान, समुद्र-मार्गान वा हवाई-मार्गान वा यंत्रचालीत जलयानांतल्यान राष्ट्रीय जलमार्गांनी उतारूंच्या म्हालाचें हाडप-व्हरप.

31. टपाल आनी तार; दूरध्वनी, बिनतारी, ध्वनिक्षेपण तशेंच हेर तत्सम स्वरुपाचीं संप्रेशण साधनां.

32. संघराज्याची संपत्ती आनी तिचे पसून मेळपी म्हासूल, पूण [1]***राज्यांत आशिल्ले संपत्तीच्या संबंदांत, संसद कायद्या वरवीं हेर तरेन उपबंध करीत तितली मर्यादा कडेक काडून त्या राज्याचे विधीविधानाचे अधीनतायेन.

[2][33* * * * *

34. भारतीय संस्थानांच्या अधिपतींच्या संपदां खातीर पाल्य न्यायालयां.

35. संघराज्याचें भौशीक देणें.

36. चलन, नाणें निर्मणी आनी वैध चलन, परकी चलन.

37. विदेशी रिणां.

38. भारतीय रिझर्व बँक.

39. टपालघर बचत बँक.

40. भारत सरकारान वा खंयच्याय राज्याच्या सरकारान आयोजीत केल्ल्यो सोर्ती.

41. विदेशां कडेन वेपार आनी वाणिज्य; शीमशुल्क सरादीं वयल्यान आयात आनी निर्यात; शीमशुल्क सरादींची निश्चिती.

42. आंतरराज्य वेपार आनी वाणिज्य.

43. बँक वेवसायी, विमो वेवसायी आनी वित्तीय म्हामंडळां धरून वेपारी म्हामंडळांचें समुदीकरण, विनेमन आनी परिसमापन, पूण हातूंत सहकारी सोसायटींचो आसपाव ना.

44. जांचीं उद्दिश्टां एका राज्यापुरतीं मर्यादीत नात अश्या संस्थांचें, मागीर त्यो वेपारी आसूं वा नासूं, समुदीकरण, विनेमन आनी परिसमापन - पूण हातूंत विद्यापिठांचो आसपाव ना.

45. बँक वेवसाय.

46. विनिमयपत्रां, धनादेश, वच न चिटी आनी हेर तत्सम संलेख.

47. विमो.

48. रोखे-बाजार आनी वायदे–बाजार.

49. एकस्वां, नवसोद आनी संकल्पचित्रां, सर्वाधिकार; वेपार चिन्नां आनी पण्य चिन्नां.

---

[1] "पयले अनुसुचीचो भाग क वा भाग ख हातूंत विनिर्दिश्ट" हीं उतरां आनी अक्षरां संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 आनी अनुसुची (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडलीं.

[2] नोंद 33 ही कलम 26, कित्तो. (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडली.

50. वजनां आनी मापां हांचीं मानकां प्रस्थापीत करप.

51. भारतांतल्यान निर्यात करपाच्या वा एका राज्यांतल्यान दुसऱ्या राज्यांत वाहतूक करपाच्या म्हालाच्या प्रतींचीं मानकां प्रस्थापीत करप.

52. जांचें नियंत्रण भौशीक हिता खातीर संघराज्या कडल्यान जावप फायदेशीर आसा अशें संसदेन कायद्या वरवीं घोशीत केलां आसत ते उद्देगधंदे.

53. तेलाखणी आनी खनीज तेलाची साधन-संपत हांचें विनेमन तशेंच उदरगत; पेट्रोलियम आनी पेट्रोलियम उत्पादनां, भयंकर ज्वालाग्राही आसात अशे संसदेन कायद्या वरवीं घोशीत केल्लीं हेर द्रव्यां आनी घन पदार्थ.

54. खणींचें विनेमन आनी खनीज विकास हीं जितले व्याप्ती मेरेन भौशीक हिता खातीर संघराज्याच्या नियंत्रणा खाला आसप फायदेशीर आसा अशें संसदेन कायद्यां वरवीं घोशीत केल्लें आसत तितले मेरेन अशें विनेमन आनी विकास.

55. खणींतल्या आनी तेला खणींतल्या श्रमिकांचें विनेमन आनी सुरक्षीतताय.

56. आंतरराज्य न्हंयो आनी न्हंयांचीं देगणां हांचें विनेमन आनी विकास जे व्याप्ते मेरेन भौशीक हिता खातीर संघराज्याच्या नियंत्रणा खाला आसप फायदेशीर आसा अशें संसदेन कायद्या वरवीं घोशीत केलां आसत तितले मेरेन अशें विनेमन आनी विकास.

57. राज्यक्षेत्रीय उदकाशिमांच्या पेल्यानची नुस्तेंमारी आनी नुस्त्या वेवसाय.

58. संघराज्य यंत्रणां वरवीं मिठाचें उत्पादन, पुरवण आनी वितरण; हेर यंत्रणां वतीन जावपी मिठाचें उत्पादन, पुरवण आनी वितरण हांचें विनेमन आनी नियंत्रण.

59. अफूची लागवड, निर्मणी आनी निर्याती खातीर विक्री.

60. चलचित्रांक प्रदर्शना खातीर मंजुरी दिवप.

61. संघराज्याच्या कर्मचाऱ्यांच्या संबंदांतले उद्देगीक तंटे.

62. ह्या संविधानाच्या आरंभाक राष्ट्रीय ग्रंथालय, भारतीय संग्रहालय, इम्पीरियल झूज संग्रहालय, व्हिक्टोरिया स्मारक आनी भारतीय झूज स्मारक म्हूण वळखतात अश्यो संस्था, आनी भारत सरकारा कडल्यान पुरायेन वा अंशतायेन जिचो खर्च चलयतात अशी आनी संसदेन कायद्यां वरवीं राष्ट्रीय म्हत्वाची संस्था म्हूण घोशीत केल्ली हेर खंयचीय तत्सम संस्था.

63. ह्या संविधानाच्या आरंभाक बनारस हिंदू विद्यापीठ, अलिगढ मुस्लीम विद्यापीठ आनी [1][दिल्ली विद्यापीठ म्हणटात त्यो संस्था; अनुच्छेद 371ङ प्रमाणें स्थापन जाल्लें विद्यापीठ] संसदेन कायद्या वरवीं राष्ट्रीय म्हत्वाची संस्था म्हूण घोशीत केल्ली हेर खंयचीय संस्था.

---

[1] "दिल्ली विश्वविद्यालय आनी"चे सुवातेर संविधान (तेत्तिसावो बदल) अधिनेम, 1973, कलम 4 (1-7-1974 हे तारखे सावन लागू) वरवीं घालें.

64. भारत सरकारा कडल्यान पुरायेन वा अंशतायेन जांचो खर्च चलयतात अशो आनी संसदेन कायद्या वरवीं राष्ट्रीय म्हत्वाच्यो संस्था म्हूण घोशीत केल्ल्यो वैज्ञानीक वा तंत्रीक शिक्षणाच्यो संस्था.

65. (क) वेवसाया संबंदींचें वेवसायीक वा तंत्रीक प्रशिक्षण, पुलीस अधिकाऱ्यांचें प्रशिक्षण धरून; वा

(ख) खाशेलो अभ्यास वा संशोधन हांचें प्रवर्धन; वा

(ग) गुन्यांवांचो सोदतपास वा चवकशी करपाच्या कामांत वैज्ञानीक वा तंत्रीक आदार, हांचे खातीर संघराज्याच्यो यंत्रणा आनी संस्था.

66. उच्च शिक्षणाच्यो वा संशोधनाच्यो संस्था आनी वैज्ञानीक आनी तंत्रीक संस्था हांच्यांतल्या दर्ज्यांचें समन्वयन आनी निर्धारण.

67. [1][संसदेन केल्ल्या कायद्या वरवीं वा ताचे खाला] राष्ट्रीय म्हत्वाचीं म्हूण घोशीत केल्लीं प्राचीन आनी इतिहासीक स्मारक शिल्पां आनी अभिलेख, तशेंच पुरातत्व थळां आनी अवशेश.

68. भारताचें सर्वेक्षण – भारताचीं भूशास्त्रीय, वनस्पतशास्त्रीय, प्राणीशास्त्रीय आनी मानवशास्त्रीय सर्वेक्षणां, हवामानशास्त्रीय संघटणा.

69. जनगणना.

70. संघ लोकसेवा; अखील भारतीय सेवा; संघ लोकसेवा आयोग.

71. संघराज्याचीं निवृत्तीवेतनां, म्हणल्यार भारत सरकारा कडल्यान वा भारताच्या एकवटीत निधींतल्यान प्रदेय आशिल्लीं निवृत्ती वेतनां.

72. संसदेच्यो, राज्यांच्यो, विधीमंडळांच्यो आनी राष्ट्रपती तशेंच उप-राष्ट्रपती हांच्या अधिकारपदाच्यो वेंचणुको; वेंचणूक आयोग.

73. संसदेचे वांगडी, राज्यसभेचो सभापती आनी उप-सभापती तशेंच लोकसभेचो अध्यक्ष आनी उपाध्यक्ष हांचे पगार आनी भत्ते.

74. संसदेचें दर एक सभाघर आनी दर एका सभाघराचे वांगडी तशेंच समित्यो हांचे अधिकार, विशेशाधिकार आनी उन्मुक्त्यो; संसदेच्या समित्यां मुखार वा संसदेन नेमिल्ल्या आयोगा मुखार साक्ष दिवपा खातीर वा दस्तावेज दाखल करपा खातीर व्यक्तींक हाजीर रावपाक सक्तीचें करप.

75. राष्ट्रपती आनी राज्यपाल हांचे परिलाभ, भत्ते, विशेशाधिकार तशेंच गैरहाजिरी-रजे संबंदींचे अधिकार; संघराज्याच्या मंत्र्यांचे पगार आनी भत्ते; नियंत्रक आनी महालेखापरिक्षक हाचो पगार, भत्ते आनी गैरहाजिरी रजे संबंदींचे अधिकार तशेंच हेर सेवा-अटी.

---

[1] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 27 (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "संसदेन कायद्या वरवीं उद्घोशीत केलें" चे सुवातेर घालें.

76. संघराज्याच्या आनी राज्यांच्या लेख्यांची लेखापरिक्षा.

77. सर्वोच्च न्यायालयाची घडण, रचणूक, न्यायाधिकारिताय आनी अधिकार (अशा न्यायालयांच्या अवमाना संबंदींचे अधिकार धरून) आनी तातूंत घेतात ती फी; सर्वोच्च न्यायालयांत वेवसाय करपाक हक्कदार आशिल्ल्यो व्यक्ती.

78. उच्च न्यायालयांचे अधिकारी तशेंच कर्मचारी हांचे संबंदींचे उपबंध सोडून उच्च न्यायालयांची घडण आनी रचणूक [1][(उच्च न्यायालयांच्यो दीर्घ सुटयो धरून)]; उच्च न्यायालयांत वेवसाय करपाक हक्कदार आशिल्ल्यो व्यक्ती.

[2][79. खंयच्याय केंद्रशासीत प्रदेशाचेर खंयच्याय उच्च न्यायालयाचे न्यायाधिकारितायेचें विस्तारण आनी ताचे पासून उच्च न्यायालयाचे न्यायाधिकारितायेचें वर्जन.]

80. खंयच्याय राज्याच्या पुलीस दळाच्या वांगड्यांच्या अधिकारांचें आनी न्यायाधिकारितायेचें त्या राज्या भायल्या खंयच्याय वाठाराचेर विस्तारण - पूण जाका लागून एका राज्याच्या पुलीस दळाक त्या राज्या भायल्या खंयच्याय वाठारांत, ज्या राज्यांत तो वाठार आसत ताच्या सरकाराचे अनुमती बगर अधिकारांचो आनी न्यायाधिकारितायेचो वापर करप जमतलें अशे तरेन न्हय; खंयच्याय राज्याच्या पुलीस दळाच्या वांगड्याचें आनी अधिकारितायेचें त्या राज्या भायल्या रेल्वे वाठारांचेर विस्तारण.

81. आंतरराज्य स्थलांतर; आंतरराज्य पृथक्वास.

82. कृषी–प्राप्ते परस हेर प्राप्ते वयलो कर.

83. निर्यात शुल्कां सयत शीम शुल्कां.

[3][84. भारतांत निर्मिल्ल्या वा उत्पादन केल्ल्या, सकयल दिल्ल्या वस्तूंचेर अबकारी शुल्क, जशें:—

(अ) कच्चें पेट्रोलियम;

(आ) हाय स्पीड डिझल;

(इ) मोटार स्पिरीट (सर्वसादारणपणान गाझोलीन म्हणटात तें);

(ई) सैमीक वाय;

(उ) हवाई टर्बायन इंधन; वा

(ऊ) तंबाकू आनी तंबाकूचीं उत्पादनां.]

85. म्हामंडळ कर.

---

[1] संविधान (पंदरावो बदल) अधिनेम, 1963, कलम 12 (पूर्वलक्षी प्रभावान) वरवीं निविश्ट केलें.

[2] संविधान (सातवो बदल) अधिनेम, 1956, कलम 29 (1-11-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं नोंद 79 हे सुवातेर घालें.

[3] संविधान (एकशें एकावो बदल) अधिनेम, 2016, कलम 17(क)(i) (16-9-2016 हे तारखे सावन लागू) वरवीं नोंद 84 हे सुवातेर घालें.

86. व्यक्ती आनी वेपारी संस्था हांचे मत्तेच्या – शेतजमनी सोडून - पुंजीगत मुल्यां वयलो कर, वेपारी संस्थांच्या भांडवला वयलो कर.

87. शेतजमीन सोडून हेर संपत्तीच्या संबंदांतलें संपदा शुल्क.

88. शेतजमीन सोडून हेर संपत्तीच्या उत्तराधिकाराच्या संबंदांतलीं शुल्कां.

89. रेल्वे-मार्गान, समुद्र-मार्गान वा हवाई-मार्गान हाड-व्हर करतात त्या म्हाला वयलो वा उतारूं वयलो शिमे-कर, रेल्वे भाडीं आनी वाहनावळी हांचे वयलो कर.

90. रोखे-बाजार आनी वायदे-बाजार हांचे भितरल्या संवेव्हारा वयलो मुद्रांक –शुल्कांक हे सोडून हेर कर.

91. विनिमयपत्रां, धनादेश, वचनचिटी, भरणपत्रां, पतपत्रां, विम्याच्यो पॉलिसी, शॅरांचें हस्तांतरण, रीणपत्रां, प्रतिपत्रां आनी पावत्यो हांचे संबंदांतल्या मुद्रांक-शुल्कांचे दर.

[1][92. * * * * * *]

[2][92क. खबरेपत्रां सोडून हेर म्हालाची विक्री वा खरेदी जंय आंतरराज्य वेपार वा वाणिज्य–वेव्हार हांच्या ओगांत घडटा थंय, अशी विक्री वा खरेदी हांचे वयलो कर.]

[3][92ख. आंतरराज्य वेपार वा वाणिज्य वेव्हार हांच्या ओगांत म्हालाचें धाडप जालां आसल्यार, अशा म्हालाच्या धाडपाचेर कर (मागीर असो म्हाल तो धाडपी व्यक्ती कडेनूच धाडिल्लो आसूं वा हेर खंयचेय व्यक्ती कडेन धाडिल्लो आसूं.)]

[4][92ग. * * * * * *]

93. हे वळेरेंत आशिल्ल्यांतल्या खंयच्याय विशया संबंदींच्या कायद्या आड गुन्यांव.

94. हे वळेरेंत आशिल्ल्यांतल्या खंयच्याय विशयाच्या प्रयोजना खातीर चवकशो, सर्वेक्षणां आनी आंकडेवारी.

95. हे वळेरेंत आशिल्ल्यांतल्या खंयच्याय विशया संबंदीं सर्वोच्च न्यायालय सोडून सगल्या न्यायालयांची न्यायाधिकारिताय आनी तांचे अधिकार; नौ-विधी अधिकारिताय.

96. हे वळेरेंत आशिल्ल्यांतल्या खंयच्याय विशया संबंदींची फी, पूण हातूंत खंयच्याय न्यायालयांत घेतात ते फींचो आसपाव ना.

97. वळेरी-2 वा वळेरी-3 हातूंत नमूद करूंक नाशिल्लो हेर कसलोय विशय – तांचे मदले खंयचेय वळेरेंत उल्लेखूंक नाशिल्लो कसलोय कर धरून.

---

[1] संविधान (एकशें एकावो बदल) अधिनेम, 2016, कलम 17 (क) (ii) (16-9-2016 हे तारखे सावन लागू) वरवीं नोंद 92 काडली.

[2] संविधान (सवो बदल) अधिनेम, 1956 कलम 2 (11-9-1956 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[3] संविधान (शेचाळिसावो बदल) अधिनेम, 1982, कलम 5 (2-2-1983 हे तारखे सावन लागू) वरवीं निविश्ट केलें.

[4] संविधान (अठ्ठ्यांयश्यांवो बदल) अधिनेम, 2003, कलम 4 (जें अंमलांत हाडलें ना) वरवीं नोंद 92-ग निविश्ट केली आनी संविधान (एकशें एकावो बदल) अधिनेम, 2016, कलम 17(क)(ii) (16-9-2016 हे तारखे सावन लागू) वरवीं काडली.

# वळेरी II—राज्य वळेरी.

1. भौशीक सुवेवस्था (पूण हातूंत नागरी सत्तेच्या आदारा खातीर) [1][नौदळ, भूदळ वा हवाई दळ वा संघराज्याचें हेर खंयचेंय सशस्त्र दळ हांचो वा संघराज्याच्या नियंत्रणाधीन आसपी हेर खंयच्या दळाचो वा ताची खंयचीय तुकडी वा पथक हांचो वापर] आसपावीत ना.

[2][2. पुलीस (रेल्वे आनी ग्राम पुलीस हांचे सयत) - वळेरी Iतले नोंद 2क च्या उपबंधांचे अधीनतायेन.]

3. [3]*** उच्च न्यायालयाचे अधिकारी आनी कर्मचारी; भाडें आनी म्हासूल न्यायालयांतली प्रक्रिया, सर्वोच्च न्यायालय सोडून सगल्या न्यायालयांनी घेतात ती फी.

4. बंदखणी, सुदारालयां, बोस्टल संस्था आनी तत्सम स्वरुपाच्यो हेर संस्था, आनी तातूंत आडावन दवरिल्ल्यो व्यक्ती, बंदखणीच्या आनी हेर संस्थांच्या वापरा खातीर हेर राज्या वांगडा संवेवस्था.

5. थळावीं स्वराज्य शासनां म्हणल्यार महानगरपालिका, सुदारणा विश्वस्त मंडळां, जिल्लो मंडळां, खणी वस्ती प्राधिकरणां आनी थळावें स्वयंशासन वा ग्राम प्रशासन हांच्या प्रयोजना खातीर आशिल्लीं हेर थळावीं प्राधिकरणां हांची घडण आनी तांचे अधिकार.

6. भौशीक भलायकी आनी नितळसाण, हॉस्पिटलां आनी भलायकी केंद्रां.

7. भारता भायल्या थळांच्यो यात्रा सोडून हेर यात्रा.

8. मादक सोरो म्हणल्यार मादक सोऱ्याचें उत्पादन, निर्मणी, ताबो, येरादारी, खरेदी आनी विक्री.

281. दि वॅस्ट बँगॉल लॅण्ड रिफॉर्म्स (थर्ड अमॅण्डमॅण्ट) ऍक्ट, 1986 (1986चो पश्चीम बंगाल अधिनेम 35).

282. दि वॅस्ट बँगॉल लॅण्ड रिफॉर्म्स (अमॅण्डमॅण्ट) ऍक्ट, 1989 (1990चो पश्चीम बंगाल अधिनेम 23).

283. दि वॅस्ट बँगॉल लॅण्ड रिफॉर्म्स (अमॅण्डमॅण्ट) ऍक्ट, 1990 (1990चो पश्चीम बंगाल अधिनेम 24).

284. दि वॅस्ट बँगॉल लॅण्ड रिफॉर्म्स ट्रायब्यूनल ऍक्ट, 1991 (1991चो पश्चीम बंगाल अधिनेम 12).]

*फोडणिशी*— अनुच्छेद 31क हातूंतल्या पोटकलम (1)च्या दुसऱ्या परंतुकाचें व्यतिक्रमण करून राजस्थान टॅनन्सी ऍक्ट, 1955 (1955चो राजस्थान अधिनेम 3) हाचे खाला केल्लें कसलेंय संपादन व्यतिक्रमणाचे व्याप्ती पुरतें शून्य आसतलें.]

# [1][धावी अनुसुची
# [अनुच्छेद 102(2) आनी 191(2)]

## पक्षांतराच्या आदाराचेर अपात्रताये संबंदीं उपबंध

**1. अर्थावणी.**— हे अनुसुचींत, खंयच्याय संदर्भांत हेर तरेन अपेक्षीत नासत जाल्यार, —

(क) "सभाघर" म्हणल्यार संसदेचें खंयचेंय सभाघर, आनी राज्याच्या संबंदांत, विधानसभा वा विधान परिशद, जशें आसत तशें, हांचे मदलें खंयचेंय सभाघर असो अर्थ आसा;

(ख) "विधीमंडळ पक्ष" हाचो अर्थ, परिच्छेद 2 वा [2]***परिच्छेद 4च्या उपबंधा प्रमाणें खंयच्याय राजकी पक्षाचो वांगडी आशिल्लो कोणूय सभाघराचो वांगडी आसत ताच्या संबंदांत, उक्त उपबंधां प्रमाणें त्या पक्षाचे तितल्या काळा खातीर वांगडी आशिल्ल्या, त्या सभाघराच्या सगल्या वांगड्यांचो समूह असो आसा.

(ग) "मूळ राजकी पक्ष" म्हणल्यार सभाघराच्या खंयच्याय वांगड्याच्या संबंदांत, असो राजकी पक्ष, जाचो परिच्छेद (2)चो उप-परिच्छेद (1) हाच्या प्रयोजना खातीर तो वांगडी असो अर्थ आसा;

(घ) "परिच्छेद" म्हणल्यार हे अनुसुचीचो परिच्छेद असो अर्थ जाता.

**2. पक्षांतराच्या कारणान अपात्रताय.**— (1) [3][परिच्छेद 4 आनी 5] हांच्या उपबंधांचे अधीनतायेन, जी व्यक्ती खंयच्याय राजकी पक्षाची वांगडी आसा, ती फुडल्या कारणांच्या आदारार अपात्र थारू येता,—

(क) ती व्यक्ती ज्या राजकी पक्षाची वांगडी आसा तिणें त्या पक्षाचें आपणालें वांगडीपण आपले खोशेन सोडलां आसत; वा

(ख) ज्या अशा राजकी पक्षाची ती व्यक्ती वांगडी आसा वा जाचे वरवीं ह्या कामा खातीर कोणूय व्यक्ती वा प्राधिकारी हाणें दिल्ल्या खंयच्याय आदेशा आड, असो राजकी पक्ष, व्यक्ती वा प्राधिकारी हाचे पूर्वमान्यताये बगर, अशा सभाघरांत, मतदान करीत वा मतदान करिनासतना रावत आनी तिणें अशें मतदान करप वा मतदान करिनासतना रावप हाका अशा राजकी पक्षान वा व्यक्तीन वा प्राधिकाऱ्यान अशें मतदान करपाचे वा ना करपाचे तारखेच्या पंदरा दिसां भितर ताका माफी दिली ना.

*फोडणिशी.*— ह्या उप-परिच्छेदाच्या प्रयोजना खातीर,—

(क) ज्या राजकी पक्षान त्या वांगड्याक आपलो अधिकृत उमेदवार म्हूण वेंचणुकेक उबो केल्लो त्या वेंचून आयिल्ल्या सभाघराच्या वांगड्याक त्या राजकी पक्षाचो वांगडी अशें धरतले;

(ख) सभाघराच्या खंयच्याय नामनिर्देशीत केल्ल्या वांगड्याच्या संबंदांत,—

---

[1] संविधान (बावन्नावो अमॅण्डमेण्ट) ऍक्ट, 1985, कलम 6 (1-3-1985 हे तारखे सावन लागू) वरवीं धावी अनुसुची जोडलीं.

[2] संविधान (एक्याण्णवावो बदल) अधिनेम, 2003, कलम 5 (1-1-2004 हे तारखे सावन लागू) वरवीं विशिश्ट उतरां काडलीं.

[3] कित्तो- कलम 5 (1-1-2004 हे तारखे सावन लागू) वरवीं "परिच्छेद 3, 4 आनी 5" हे सुवातेर घालें.

*(i)* जेन्ना ताचे अशे नेमणुकेचे तारखेक तो खंयच्याय एका राजकी पक्षाचो वांगडी आशिल्लो, ताका त्या राजकी पक्षाचो वांगडी अशें धरतले;

*(ii)* हेर खंयचेय परिस्थितीच्या संबंदांत, तो, अनुच्छेद 99च्या वा अनुच्छेद 188च्या, जशें आसत तशें, अपेक्षांक पाळो दिवन ते उपरांत आपली सुवात घेवपाचे तारखे सावन स म्हयन्यां भितर, खंयच्याय राजकी पक्षाचो वांगडी जाला आसत वा पयले फावटीं वांगडी जाला आसत, जशें आसत तशें.

(2) खंयच्याय राजकी पक्षाचे वतीन अधिकृत उमेदवार म्हणिनासतना हेर खंयचेय तरेन कोणूय उमेदवार वांगडी म्हूण वेंचून आयला आसत जाल्यार, तो वेंचून आयल्या उपरांत खंयच्याय राजकी पक्षाचो वांगडी जालो जाल्यार अपात्र थारतलो.

(3) अनुच्छेद 99 वा अनुच्छेद 188 हांच्या, जशें आसत तशें, अपेक्षांक पाळो दिल्या उपरांत सभाघराचो कोणूय नामनिर्देशीत वांगडी आपली सुवात घेतल्या उपरांत जरी ते तारखेच्या स म्हयन्यां उपरांत खंयच्याय राजकी पक्षांत वचत जाल्यार तो सभाघराचो वांगडी म्हूण अपात्र थारतलो.

(4) ह्या परिच्छेदाच्या खंयच्याय पुर्वगामी उपबंधांनी कितेंय आसलें तरी अशे खंयचेच व्यक्तीच्या संबंदांत, ती व्यक्ती 'संविधान (बावन्नावो अमॅण्डमॅण्ट) ऍक्ट, 1985'च्या आरंभाक सभाघराचो वांगडी आसा (मागीर ती वेंचून आयिल्ली वांगडी आसूं वा नामनिर्देशीत केल्ली आसूं) तिचे संबंदांत,—

*(i)* जरी ती अशा आरंभाचे निकटपूर्व खंयच्याय राजकी पक्षाची वांगडी आशिल्ली जाल्यार, ह्या परिच्छेदाच्या उप-परिच्छेद (1) खातीर, ती अशा राजकी पक्षान वेंचणुकेक उबी करून अशा सभाघराची वांगडी म्हूण वेंचून आयल्या अशें धरतले;

*(ii)* हेर खंयचेय परिस्थितींत, जशें आसा तशें, ह्या परिच्छेदाच्या उप-परिच्छेद (2)च्या प्रयोजना खातीर अशें धरतले की, असो वेंचून आयिल्लो वांगडी, खंयच्याय राजकी पक्षान उबो केल्ल्या उमेदवारा परस वेगळे तरेन वेंचून आयला, वा ह्या परिच्छेदाचो उप-परिच्छेद (3) हाच्या प्रयोजना खातीर, तो सभाघराचो नेमणूक केल्लो वांगडी आसा, जशें आसत तशें.

[1]* * * * *

**4. पक्षांतराच्या कारणान अपात्रताय विलिनीकरणाचे बाबतींत लागू जायना.**— (1) सभाघराच्या वांगड्याचो मूळ राजकी पक्ष जरी हेर खंयच्याय राजकी पक्षांत विलीन जायत जाल्यार परिच्छेद 2चो उप-परिच्छेद (1) हाचे अधीनतायेन तो अपात्र थारचो ना, पूण ताणे असो दावो करचो पडटलो की, तो आनी ताच्या मूळ राजकी पक्षाचे हेर वांगडी—

(क) अशा हेर राजकी पक्षाचे वा अशा विलिनीकरणाक लागून जाल्ल्या नव्या पक्षाचे, जशें आसत तशें, वांगडी जाल्यात; वा

(ख) तांणी विलिनीकरण आपणावंक ना आनी एक वेगळो गट कशें कार्य करपाचें थारायलां.

---

[1] संविधान (एक्याण्णवावो बदल) अधिनेम, 2003, कलम 5 (1-1-2004 हे तारखे सावन लागू) वरवीं परिच्छेद 3 काडलो.

आनी अश्या विलिनीकरणाच्या वेळा सावन, अशा हेर राजकी पक्षाच्या वा नव्या राजकी पक्षाच्या वा गटाच्या, जशें आसा तशें, संबंदांत तो परिच्छेद 2चो उप-परिच्छेद (1)च्या प्रयोजना खातीर तो त्याच पक्षांत आसा आनी ह्या उप-परिच्छेदाच्या प्रयोजनां खातीर तोच ताचो मूळ राजकी पक्ष अशें धरतले.

(2) ह्या परिच्छेदाचो उप-परिच्छेद (1)च्या प्रयोजनां खातीर, सभाघराच्या खंयच्याय वांगड्याच्या मूळ राजकी पक्षाचें विलिनीकरण जालां अशें तेन्नाच धरतले, जेन्ना संबंदीत विधीमंडळ पक्षाचे उण्यांत उणे दोन-तृतियांश वांगडी अशा विलिनीकरणाक सहमत आसतले.

**5. सूट.** — हे अनुसुचींत कितेंय आसलें तरी, कोणूय व्यक्ती जरी लोकसभेचो अध्यक्ष वा उपाध्यक्ष वा राज्यसभेचो सभापती वा उप-सभापती वा खंयच्याय राज्याचे विधान परिशदेचो सभापती वा उप-सभापती वा खंयच्याय राज्याचे विधानसभेचो अध्यक्ष वा उपाध्यक्ष ह्या पदाचेर वेंचून आयल्या आसत जाल्यार, हे अनुसुचीचे अधीनतायेन अपात्र थारची ना,—

(क) जरी तो वांगडी, अशा पदाचेर ताची वेंचणी जाल्ल्यान अशा राजकी पक्षाचो, जाचो तो अशे वेंचणेचे निकटपूर्व वांगडी आशिल्लो, त्या पक्षाचें वांगडीपण आपखोशेन सोडीत आनी ताच्या उपरांत जे मेरेन तो तें पद धारण करून रावता ते मेरेन, त्या राजकी पक्षांत परत वचनासतना रावत वा दुसऱ्या खंयच्याय राजकी पक्षांत परत वचनासतना रावत वा दुसऱ्या खंयच्याय राजकी पक्षांत सामील जायनासतना रावत; वा

(ख) जरी तो, अशा पदाचेर जाल्ले ताचे वेंचणेक लागून अश्या राजकी पक्षाचें, जाचो तो अशे वेंचणेच्या निकटपूर्व वांगडी आशिल्लो, आपलें वांगडीपण सोडून दीत आनी अशा अधिकारपदाचेर रावनासतना आसत ताच्या उपरांत परतून अश्या राजकी पक्षांत सामील जावं येता.

**6. पक्षांतराच्या कारणान अपात्रताये संबंदांत प्रस्नांचेर निर्णय.**— (1) हे अनुसुची खाला सभाघराचो कोणूय वांगडी अपात्रतायेचे कक्षेंत येता काय ना असो प्रस्न उप्रासल्यार, तो प्रस्न अशा सभाघराच्या, सभापती वा अध्यक्ष, जशें आसत तशें, हाच्या निर्णया खातीर धाडटले आनी ताचो निर्णय निमाणो आसतलो:

ताका शर्त अशी कीं, सभाघराचो खुद्द सभापती वा अध्यक्षूच अशे अपात्रतायेचे कक्षेंत येता काय कितें असो प्रस्न उप्रासलो जाल्यार, तो प्रस्न सभाघराच्या कोणूय अश्या वांगड्याच्या निर्णया खातीर सोंपयतले - ज्या वांगड्याक सभाघर ह्या कामा खातीर वेंचून काडीत – आनी ताचो निर्णय निमाणो आसतलो.

(2) हे अनुसुची खाला सभाघराच्या कोणाय वांगड्याचे अपात्रताये विशींच्या कसल्याय प्रस्ना संबंदांत ह्या परिच्छेदाचो उप-परिच्छेद – (1) हाचे खाला सगल्या कार्यवाह्यां संबंदान, अनुच्छेद 122च्या अर्थान संसदेच्यो कार्यवाह्यो वा अनुच्छेद 212च्या अर्थान खंयच्याय राज्याच्या विधीमंडळाच्यो कार्यवाह्यो, जशें आसत तशें, ग्राह्य धरतले.

(धावी अनुसुची)

*[*]**7. न्यायालयांच्या न्यायाधिकारितायांचें वर्जन.** — ह्या संविधानांत कितेंय आसलें तरी, खंयच्याय न्यायालयाक हे अनुसुची खाला सभाघराच्या कोणाय वांगड्याचे अपात्रताये कडेन संबंदीत कसल्याच विशयांत कसलीच न्यायाधिकारिताय आसची ना.*

**8. नेम.** — (1) ह्या परिच्छेदाचो उप-परिच्छेद (2) हाच्या उपबंधांचे अधीनतायेन, सभाघराच्या सभापतीच्यान वा अध्यक्षाच्यान, हे अनुसुचीचे उपबंध कार्यान्वीत करपा खातीर नेमावळ करूं येता आनी विशेशतायेन आनी पुर्वगामी अधिकाराचे व्यापकतायेचेर विपरीत परिणाम करिनासतना अश्या नेमां खातीर फुडले तरेन उपबंध करूं येतात—

(क) सभाघराचे साबार वांगडी ज्या राजकी पक्षांचे वांगडी जावन आसात, तांच्या संबंदांत नोंदपटयो वा हेर अभिलेख दवरप;

(ख) असो अहवाल जो सभाघराच्या कोणाय वांगड्याच्या संबंदांत खंयच्याय विधीमंडळ पक्षाचो फुडारी त्या वांगड्याच्या संबंदांत परिच्छेद 2चो उप-परिच्छेद (1) हाच्या पोटकलम (ख) हातूंत उल्लेखीत भोगसणेच्या स्वरुपा संबंदांत दितलो, तशेंच अहवाल दिवपाचो कालावधी आनी जाका तो सादर करपाचो तो प्राधिकारी;

(ग) अशे अहवाल जे खंयचोय राजकी पक्ष त्या सभाघराच्या कोणाय वांगड्यांक अशा राजकी पक्षांत प्रवेश दिवपा संबंदांत सादर करतलो, आनी त्या सभाघराच्या ज्या अधिकाऱ्या कडेन ते सादर करपाचे आसात.

(घ) परिच्छेद 6चो उप-परिच्छेद (1) हातूंत निर्दिश्ट अशा खंयच्याय प्रस्नाचें निराकरण करपाची कार्यपद्दत, तो प्रस्न सुटावो करूंक गरजेची आसत अशे कसलेय चवकशेचे कार्यपद्दती सयत.

(2) ह्या परिच्छेदाचो उप-परिच्छेद (1) हाचे खाला सभापतीन वा अध्यक्षान केल्ले नेम ते केल्या उपरांत जाता तितले बेगीन, वट्ट तीस दिसांच्या काळा खातीर सभाघरा मुखार दवरतले, जो कालावधी एका सत्रांत वा दोन वा चड क्रमवर्ती सत्रांनी सामावं येता, आनी ते सभाघरान फेरबदलां सयत वा फेरबदलां बगर तीस दिसां आदीं मान्य केल्लें नासत जाल्यार तीस दिसांची समाप्ती जातकूच परिणामकारी जातले, आनी जंय ते तशे संमत करतले, थंय ते तशे मान्यताये उपरांत ज्या रुपांत मांडिल्ले त्या वा तशा फेरबदल केल्ल्या रुपांत, जशें आसत तशें, परिणामकारी जातले, आनी ते तशे अमान्य केले, जाल्यार ते परिणामकारी जावचे नात.

(3) सभाघराच्या सभापतीच्यान वा अध्यक्षाच्यान, अनुच्छेद 105 वा अनुच्छेद 194 हांच्या उपबंधांचेर वा संविधाना खाला ताका आशिल्ल्या खंयच्याय हेर अधिकाराचेर विपरीत परिणाम करिनासतना, ह्या संविधाना खाला, असो निदेश दिवं येता की, ह्या परिच्छेदा खाला केल्ल्या नेमांच्या कोणेय व्यक्तीन जाणा जावन केल्ल्या कसल्याय भंगाच्या संबंदांत तशेच रितीन कारवाय जावची जशे रितीन सभाघराच्या विशेशाधिकाराच्या भंगाच्या संबंदांत करतात.]

---

[*] अनुच्छेद 368च्या पोटकलम (2)क आशिल्ल्या परंतुकाक धरून *किहोतो होलोहन आड जेचिल्हु आनी हेर* A.I.R. 1993 SC 412 हातूंतल्या भोवमता प्रमाणें अनुसंमती मेळूंक नाशिल्ल्यान परिच्छेद 7 कायद्या भायलो जाहीर केलो.

# [1][इकरावी अनुसुची
## (अनुच्छेद 243छ)

1. कृषी, कृषी विस्तारा सयत.
2. जमीन सुदारणा, भूंय सुदारणांची कार्यवाही, जमीन एकवटीकरण आनी मातयेचो सांबाळ.
3. ल्हान शिंपणावळ, उदकाचें वेवस्थापन आनी उदकालोट वाठार उदरगत.
4. मोनजात सांबाळ, दूद वेवसाय आनी कुकडां पोसणी
5. नुस्तेंमारी
6. सामाजीक वनविज्ञान आनी शेतकी वनविज्ञान.
7. किरकोळ वन संसाधनां.
8. लघू उद्देग, अन्न प्रक्रिया उद्देगां सयत.
9. खादी, ग्राम आनी कुटीरोद्देग.
10. ग्रामीण घर निर्माण.
11. पिवपाचें उदक.
12. जळोव आनी पोसरां खावड.
13. रस्ते, सांकव, पूल, फेरीसेवा, जलमार्ग आनी येरादारेचीं हेर साधनां.
14. ग्रामीण विद्युतीकरण, वीज वितरावणे सयत.
15. अपारंपरीक उर्जास्रोत.
16. गरिबी उणावणे कार्यावळी.
17. शिक्षण, मुळाव्यो आनी माध्यमीक शाळा हांचे सयत.
18. तंत्रीक प्रशिक्षण आनी वेवसायीक शिक्षण.
19. प्रौढ आनी निरुपचारीक शिक्षण.
20. ग्रंथालयां.
21. संस्कृतीक कार्यावळी.
22. बाजार आनी फेरयो.
23. भलायकी आनी भलायके राखण, रुग्णालयां, मुळावीं भलायकी केंद्रां आनी भलायकी केंद्रां हांचे सयत.
24. बायलां कल्याण.
25. बायलां आनी भुरग्यां विकास.
26. समाज कल्याण, दिव्यांग आनी मतिमंद कल्याण हांचे सयत.
27. दुबळ्या घटकांचें, आनी विशेशतायेन अनुसुचीत जाती आनी अनुसुचीत जमातींचें कल्याण.
28. भौशीक वितरावणी वेवस्था.
29. सामुदायीक मालमत्तांची देखभाल.]

---

[1] संविधान (त्र्यात्तरावो बदल) अधिनेम, 1992, कलम 4 (24-4-1993 हे तारखे सावन लागू) वरवीं इकरावी अनुसुची जोडलीं.

# [1][बारावी अनुसुची

## (अनुच्छेद 243ख)

1. नगर नियोजनाचो आसपाव आशिल्लें शारी नियोजन.
2. जमीन-वापराचें नेमन आनी इमारतींचें बांदकाम.
3. अर्थीक आनी समाजीक विकासा खातीर नियोजन.
4. रस्ते आनी पूल.
5. घरगुती, उद्देगीक आनी वेपारी प्रयोजना खातीर उदका पुरवण.
6. भौशीक भलायकी, भलायकी राखण वेवस्थेचो सांबाळ आनी सुक्या कोयराचें वेवस्थापन.
7. उजो पालोवपाची सेवा.
8. शारी वनविज्ञान, पर्यावरण सांबाळ आनी जीव-सृश्ट-संबंद विज्ञानीक बाबींचो पुरस्कार.
9. दिव्यांग आनी मतिमंद हांचे सयत समाजांतल्या दुर्बळ घटकांची हितराखण,
10. खोंपट्यां-वसत्यांची सुदारणां आनी उन्नयन
11. शारी गरिबीची उणावणी.
12. बागो, जार्दिनां, खेळा-मैदानां हांच्यो सोयी तयार करून दिवप.
13. संस्कृतीक, शिक्षणीक आनी सौंदर्यात्मक बाबींचो पुरस्कार.
14. मर्णां/ दफनां, आनी दफनभुंयो/ सिमितेरी; अंत्यसंस्कार /दहनां आनी दहनभुंयो/ मसंडवटी आनी विद्युती मसंडवटी.
15. गोरवांचे कोंडवाडे, जनावरां आड क्रूरतायेक प्रतिबंध.
16. जल्म आनी मरण नोंदणी सयत गरजेची तत्सम आंकडेवारी.
17. रस्त्या वयली विजे-दिव्यां वेवस्था, पार्किंगाच्यो सुवातो, बस थांबे आनी भौशीक सोंपेपणां.
18. कत्तलखाने आनी चर्मोद्देग हांचें नेमन.]

[1] संविधान (चवद्यात्तरावो बदल) अधिनेम, 1992, कलम 4 (1-6-1993 हे तारखे सावन लागू) वरवीं बारावी अनुसुची जोडलीं.

# परिशिश्ट I

# संविधान (शंबरावो बदल) अधिनेम, 2015

[28 मे, 2015.]

भारत आनी बांगलादेश हांच्या सरकारां मदीं जाल्ले कबलातीक आनी तिच्या शिश्टाचाराक धरून भारतान, राज्यक्षेत्रां संपादप आनी विशिश्ट क्षेत्रां बांगलादेशाक हस्तांतरीत करप हें परिणामक करूंक, भारताच्या संविधानांत आनीक बदल करूंक एक अधिनेम.

संसदेन भारत प्रजासत्ताकाच्या सांसठाव्या वर्सा सकयल दिल्ल्या प्रमाणें अधिनेमीत करचें:—

**1. संक्षिप्त माथाळो.** — ह्या अधिनेमाक संविधान (शंबरावो बदल) अधिनेम, 2015 अशें म्हणचें.

**2. व्याख्या.** — ह्या अधिनेमांत, —

(क) "संपादीत राज्यक्षेत्र" म्हणल्यार पोटकलम (ग) हातूंत उल्लेखीत भारत-बांगलादेश कबलात आनी तिचो शिश्टाचार हांकां धरून भारतान संपादपा खातीर जितल्या राज्यक्षेत्रांचो उल्लेख पयले अनुसुचींत केला आनी तांचें शिमांकन केलां, तितलीं राज्यक्षेत्रां;

(ख) *"थारायिल्लो दीस" म्हणल्यार भारत-बांगलादेश कबलात आनी तिचो शिश्टाचार हांकां धरून बांगलादेशा कडल्यान राज्यक्षेत्रां संपादूंक आनी बांगलादेशाक क्षेत्रां हस्तांतरीत करूंक, पयली अनुसुची आनी दुसरी अनुसुची हातूंत उल्लेखीत आनी त्या उद्देशान अशीं संपादपाचीं आनी हस्तांतरीत करपाचीं राज्यक्षेत्रां शिमांकीत केल्या उपरांत केंद्र सरकारान भारत राजपत्रांत अधिसुचवणे वरवीं थारायिल्ली तारीख;

(ग) "भारत-बांगलादेश कबलात" म्हणल्यार भारतीय प्रजासत्ताक आनी बांगलादेशाचें लोकांचें प्रजासत्ताक हांचे मदीं भारत आनी बांगलादेश हांचे मदले भूंय-शिमेचें शिमांकन आनी संबंदीत विशयांचेर 16 मे, 1974 ह्या दिसा जाल्ली कबलात, 26 डिसेंबर, 1974, 30 डिसेंबर, 1974, 7 ऑक्टोबर, 1982, 26 मार्च, 1992 ह्या दिसांक जाल्ल्या पत्रांचें दिवप-घेवप आनी 6 सप्टेंबर, 2011क भारत आनी बांगलादेश सरकारांनी ते कबलातीचो मानून घेतिल्लो शिश्टाचार, जाचे संबद्ध उतारे तिसरे अनुसुचींत मांडल्यात;

* 31 जुलय, 2015, अधिसुचोवणी क्रमांक S.O. 2094(E), तारीख 31 जुलय, 2015 वरवीं.

(घ) "हस्तांतरीत राज्यक्षेत्र" म्हणल्यार भारत-बांगलादेश कबलात आनी तिचो शिश्टाचार हातूंत आयिल्लींच आनी दुसरे अनुसुचींत उल्लेख आशिल्लीं, जीं बांगलादेशाक भारतान हस्तांतरीत करूंक पोटकलम (ग) हातूंत उल्लेख केल्ल्यो कबलाती आनी शिश्टाचार हांकां धरून ते पासत शिमांकीत केल्ल्या प्रमाणें जातात तीं राज्यक्षेत्रां.

**3. संविधानांत पयले अनुसुचीचो बदल.**— थारायिल्ल्या दिसा सावन, संविधानाचे पयले अनुसुचींत,—

(क) आसाम राज्याच्या राज्यक्षेत्रां संबंदांतल्या परिच्छेदांत "आनी संविधान (शंबरावो बदल), अधिनेम, 2015चे दुसरे अनुसुचीच्या भाग I हातूंत उल्लेखीत, संविधान (णववो बदल) अधिनेम, 1960 हाच्या कलम 3च्या पोटकलम (क) हातूंत कितेंय आसलें तरी, जे मेरेन ताचो संबंद संविधान (शंबरावो बदल) अधिनेम, 2015चे दुसरे अनुसुचीच्या भाग I हातूंत उल्लेखीत राज्यक्षेत्रां कडेन आसा" हीं उतरां, कंस आनी आंकडे हे अखेरेक जोडून येतले;

(ख) पश्चीम बंगाल राज्याच्या राज्यक्षेत्रां संबंदांतल्या परिच्छेदांत "आनी संविधान (शंबरावो बदल), अधिनेम, 2015चे पयले अनुसुचीच्या भाग III हातूंत उल्लेखीत, पूण संविधान (शंबरावो बदल) अधिनेम, 2015चे दुसरे अनुसुचीच्या भाग IIIत उल्लेखीत राज्यक्षेत्रां वर्जीत करून, संविधान (णववो बदल) अधिनेम, 1960 हाच्या कलम 3च्या पोटकलम (ग) हातूंत कितेंय आसलें तरी, जे मेरेन ताचो संबंद संविधान (शंबरावो बदल) अधिनेम, 2015चे पयले अनुसुचीच्या भाग IIIत उल्लेखीत राज्यक्षेत्रां कडेन आनी दुसरे अनुसुचीच्या भाग IIIत उल्लेखीत राज्यक्षेत्रां कडेन आसा," हीं उतरां, कंस आनी आंकडे हे अखेरेक जोडून येतले;

(ग) मेघालय राज्याच्या राज्यक्षेत्रां संबंदांतल्या परिच्छेदांत "आनी संविधान (शंबरावो बदल), अधिनेम, 2015चे पयले अनुसुचीच्या भाग I हातूंत उल्लेखीत राज्यक्षेत्रां, पूण दुसरे अनुसुचीच्या भाग II हातूंत उल्लेखीत राज्यक्षेत्रां वगळून" हीं उतरां, कंस आनी आंकडे हे अखेरेक जोडून येतले;

(घ) त्रिपुरा राज्याच्या राज्यक्षेत्रां संबंदांतल्या परिच्छेदांत "संविधान (शंबरावो बदल) अधिनेम, 2015चे पयले अनुसुचीच्या भाग II हातूंत उल्लेखीत राज्यक्षेत्रां, संविधान (णववो बदल) अधिनेम, 1960च्या कलम 3च्या पोटकलम (घ) हातूंत कितेंय आसलें तरी, जे मेरेन संविधान (शंबरावो बदल) अधिनेम, 2015चे पयले अनुसुचीच्या भाग II हातूंत उल्लेखीत राज्यक्षेत्रांक तें संबंदीत आसा" हीं उतरां, कंस आनी आंकडे अखेरेक जोडून येतले.

(परिशिश्ट I)

# पयली अनुसुची

[कलम 2(क), 2(ख) आनी 3 पळोवचे]

## भाग I

16 मे, 1974 दिसाचे कबलातीच्या कलम 2 कडेन आनी 6 सप्टेंबर, 2011च्या शिश्टाचाराचे अनुच्छेद 3 (I) (ग) (ii) (iii) (iv) (v) हांचे कडेन संबंदीत संपादीत राज्यक्षेत्र.

## भाग II

16 मे, 1974 दिसाचे कबलातीच्या अनुच्छेद 2 कडेन आनी 6 सप्टेंबर, 2011च्या शिश्टाचाराचे अनुच्छेद 3 (I) (ग) (i) हांचे कडेन संबंदीत संपादीत राज्यक्षेत्र.

## भाग III

16 मे, 1974 दिसाचे कबलातीच्या अनुच्छेद 1 (12) आनी 2 कडेन आनी 6 सप्टेंबर, 2011च्या शिश्टाचाराचे अनुच्छेद 2 (II), 3(I) (क) (iii) (iv) (v) (vi) हांचे कडेन संबंदीत संपादीत राज्यक्षेत्र.

# दुसरी अनुसुची

[कलम 2(ख), 2(घ) आनी 3 पळोवचे]

## भाग I

16 मे, 1974 दिसाचे कबलातीच्या अनुच्छेद 2 कडेन आनी 6 सप्टेंबर, 2011च्या शिश्टाचाराचे अनुच्छेद 3 (I)(घ)(i)(ii) हांचे कडेन संबंदीत हस्तांतरीत राज्यक्षेत्र.

## भाग II

16 मे, 1974 दिसाचे कबलातीच्या अनुच्छेद 2 कडेन आनी 6 सप्टेंबर, 2011च्या शिश्टाचाराचे अनुच्छेद 3 (I) (ख) (i) हांचे कडेन संबंदीत हस्तांतरीत राज्यक्षेत्र.

## भाग III

16 मे, 1974 दिसाचे कबलातीच्या अनुच्छेद 1(12) आनी अनुच्छेद 2 हांचे कडेन आनी 6 सप्टेंबर, 2011च्या शिश्टाचाराचे अनुच्छेद 2(II), 3 (I) (क) (i) (ii) (vi) हांचे कडेन संबंदीत हस्तांतरीत राज्यक्षेत्र.

(परिशिश्ट I)

# तिसरी अनुसुची

[कलम 2(ग) पळोवचें]

## I. भारत आनी बांगलादेश हांचे मदले भूंय शिमेच्या शिमांकना संबंदान आनी ताका संबंदीत विशयांचेर भारतीय प्रजासत्ताकाचें सरकार आनी बांगलादेश लोकांच्या प्रजासत्ताकाचें सरकार हांचे मदीं 16 मे, 1974 ह्या दिसा जाल्ले कबलातींतले उतारे

### अनुच्छेद 1 (12): परिक्षेत्रां

बांगलादेशांतलें भारतीय परिक्षेत्र आनी भारतांतलें बांगलादेशी परिक्षेत्र, परिच्छेद 14 त उल्लेखीत परिक्षेत्र वगळून बांगलादेशाक वतल्या अतिरिक्त वाठारा खातीर भरपायेचो दावो करिनासतना हांची अदला बदली ताकतिकेन जावची.

### अनुच्छेद 2:

भारत आनी बांगलादेश सरकारां मान्य करतात की, शिमांकीत जाल्ल्या आशिल्ल्या वाठारांतल्या ज्या राज्यक्षेत्रांचे शिमेचे शिरेचे नकशे तयार आसात तांची अदला-बदली, त्या शिमे-शिरांच्या नकशांचेर पूर्णाधिकाऱ्यांच्यो निशाण्यो जायत सावन स म्हयन्यां भितर करूंक जाय. संबंदीत नकशांचेर तांणी जाता तितले बेगीन पूण खंयचेय परिस्थितींत 31 डिसेंबर, 1974चे पयलीं, निशाणी करूंक जाय. हेर ज्या वाठारांचें शिमांकन जाल्लेंच आसा तांचेय नकशे छापचे नदरेन उपाययेवजण करची. ते 31 मे, 1975 मेरेन छापूंक जाय आनी उपरांत पूर्णाधिकाऱ्यांनी तांचेर निशाण्यो करूंक जाय, जाका लागून 31 डिसेंबर, 1975 मेरेन एकामेकांच्या ताब्यांत आशिल्ल्या राज्यक्षेत्रांची अदला-बदली जावंक जाय. ज्या विभागांचें शिमांकन आजून जावचें आसा, तांच्या राज्यक्षेत्रीय न्यायाधिकारांची अदला-बदली पूर्णाधिकाऱ्यांनी संबंदीत शिमां शिरांच्या नकशांचेर निशाण्यो केल्ल्या पसून स म्हयन्यां भितर जावंक जाय.

## II. भारतीय प्रजासत्ताकाचें सरकार आनी बांगलादेशाचें लोकांचें प्रजासत्ताक हांचे मदीं भारत आनी बांगलादेश हांचे मदले भूंय-शिमेच्या शिमांकना संबंदान 6 सप्टेंबर, 2011 दिसा जाल्ले कबलातीच्या शिश्टाचारांतले उतारे

### अनुच्छेद 2:

(II) 1974चे कबलातीच्या अनुच्छेद 1चें पोटकलम 12ची अंमलबजावणी सकयल दिल्ल्या प्रमाणें करतले: —

***परिक्षेत्रां***

संयुक्तपणान सत्यापीत केल्ले आनी डीजीऍलआर ऍण्ड ऍस बांगलादेश आनी डीऍलआर ऍण्ड ऍस पश्चीम बंगाल (भारत) हांच्या पांवड्यार एप्रील, 1997त निशाण्यो जाल्ल्या भूकर परिक्षेत्रांच्या नकाशां प्रमाणें 111 बांगलादेशांतलें भारतीय परिक्षेत्र आनी 51 बांगलादेशाचें भारतांतलें परिक्षेत्र, बांगलादेशाक गेल्ल्या अतिरिक्त वाठारां पासत भरपायेच्या दाव्यां बगर अदला-बदली करतले.

**अनुच्छेद 3:**

(I) 1974चे कबलातींतल्या अनुच्छेद 2ची अंमलबजावणी सकयल दिल्ल्या प्रमाणें करतले:—

भारत सरकार आनी बांगलादेश सरकार मान्य करतात की, दोनूय देशांच्या भूंय नोंदी आनी सर्वेक्षण विभागांनी डिसेंबर, 2010 आनी ऑगस्ट, 2011 हांचे मदीं संयुक्त सर्वेक्षणा वरवीं थारायिल्ल्या प्रमाणें आनी एकामेकाच्या ताब्यांत आशिल्ल्या भूंय वाठाराच्या वळेरी नकशांत (एपीऍल् नकसो) पुरायपणान चित्रीत राज्यक्षेत्रां खातीर एक थीर शीम म्हूण ही शीम थारायतले, जांचें पुराय वर्णन सकयल दिल्ल्या (क) ते (घ) पोटकलमांनी दिलां.

ह्या संबंदीत शिरांचे नकशे छापप आनी पूर्णाधिकाऱ्यांच्यो निशाण्यो आनी राज्यक्षेत्रीय न्यायाधिकारांचें हस्तांतरण हें परिक्षेत्रांच्या अदला-बदला वांगडाच एकाच वेळार जातलें. वयर नमूद केल्ल्या वळेरी नकशांनी चित्रीत हे शिमेचें शिमांकन सकयल दिल्ले भशेन आसतलें:—

**(क) पश्चीम बंगाल विभाग**

(i) *बौसमारी–मधुगरी (कुश्तिया-नाडिया) वाठार*

ही शीम, 1962 तल्या शिमांकन नकशांत चित्रीत केल्ल्या प्रमाणें, जून, 2011त संयुक्तपणान सर्वेक्षण करून मान्य जालां तशें सद्याचो शिमे खांबो क्र. 154/5-ऍस ते 157/1-ऍस सावन मथबंगा न्हंयेच्या आदल्या प्रवाहाच्या मध्याक धरून, काडटले.

(ii) *अंधारकोटा (कुश्तिया-नाडिया) वाठार*

ही शीम, जून, 2011त संयुक्तपणान सर्वेक्षण करून मान्य जालां तशी सद्याचो शिमे खांबो क्र. 152/5-S ते शिमे खांबो क्र.153/1-S अशी, विद्यमान आशिल्ले मथबंगा न्हंयेच्या तिराक धरून काडटले.

(iii) *पाकुरिया (कुश्तिया- नाडिया) वाठार*

ही शीम, जून 2011त संयुक्तपणान सर्वेक्षण करून मान्य जालां तसो सद्याचो शिमे खांबो क्र. 151/1-S ते शिमे खांबो क्र.152/2-S अशी, मथबंगा न्हंयेच्या तिराक धरून काडटले.

(iv) *चार महिश्कुंडी (कुश्तिया- नाडिया) वाठार*

ही शीम, जून, 2011त संयुक्तपणान सर्वेक्षण करून मान्य जालां तसो सद्याचो शिमे खांबो क्र. 153/1-S ते शिमे खांबो क्र.153/9-S अशी, मथबंगा न्हंयेच्या तिराक धरून काडटले.

(v) *हरिपाल/ खुतादाह/ बाट्टोली/ सापामेरी/ऍ़ ल् ऍन् पूर (पटारी) (नौगांव-मालदा) वाठार*

ही शीम, जून 2011त संयुक्तपणान सर्वेक्षण करून मान्य जालां तसो सद्याचो शिमे खांबो क्र. 242/S/13 ते शिमे खांबो क्र. 243/7-S/5 हांकां जोडपी वळ कशी काडटले.

(vi) *बेरुबाडी (पांचागढ- जलपैगुडी वाठार)*

बेरुबाडी (पांचागढ-जलपैगुडी) वाठारांत बांगलादेशान प्रतिपक्षीं आडायल्ली, आनी भारतान आडायल्ली बेरुबाडी आनी सिंघापाडा-खुदीपाडा (पांचागढ-जलपैगुडी) ह्या वाठारांतली ही शीम 1996-1998 ह्या काळांत संयुक्तपणान शिमांकन केल्ली तशी काडटले.

**(ख) मेघालय विभाग**

(i) *लोबाचेरा-नुनचेर्रा*

ही शीम, लायलाँग-बालिचेरांत विद्यमान शिमे खांबो क्र. 1315/4-S ते शिमे खांबो 1315/15-S, लायलाँग-नुनचेर्रांत आशिल्ल्या शिमे खांबो क्र. 1316/11-S ते शिमे खांबो क्र. 1316/11-S, लायलाँग-लाहिलिंगांत आशिल्ल्या शिमे खांबो क्र. 1317 ते शिमे खांबो क्र. 1317/13-S आनी लायलाँग-लोभाचेरांत आशिल्ल्या शिमे खांबो क्र. 1318/1-S ते शिमे खांबो 1318/2-S अशी डिसेंबर, 2010त संयुक्तपणान सर्वेक्षण करून मान्य केल्ल्या प्रमाणें च्याच्या मळ्यांचे कडेक धरून काडटले.

(ii) *पिरडीवाह/पडुआ वाठार*

ही शीम, संयुक्तपणान सर्वेक्षण करून आपसांत मान्य जाल्ले, विद्यान शिमे खांबो क्र. 1270/1-S सावन शिमे खांबो 1271/1-T मेरेन अशे वळींत काडटले. दोनूय पक्ष मान्य करतात की, पिर्दिवाह गांवांतल्या भारतीय नागरिकांक पियांग न्हंयेंतल्यान, मान्य जाल्ल्या नकशांतल्या बिंदू क्र. 6 लागींच्यान उदक घेवंक दितले.

(iii) *लिंगखाट वाठार*

(कक) *लिंगखाट-I/कुलुमचेरा आनी लिंगखाट -II/कुलुमचेरा*

ही शीम, संयुक्तपणान सर्वेक्षण केल्ले आनी आपसांत मान्य केल्ले वळींत, विद्यमान शिमे खांबो क्र. 1264/4-S ते शिमे खांबो क्र. 1265 आनी शिमे खांबो क्र. 1265/6-S ते 1265/9-S अशी काडटले.

(कख) लिंगखाटIII/ सोनारहाट

ही शीम, विद्यमान शिमे खांबो क्र. 1266/13-S सावन व्हाळाक धरून दक्षीणे वटेन पश्चिमोत्तर व्हांवतल्या दुसऱ्या व्हाळाक मेळसर, उपरांत त्या पूर्वेच्या व्हाळाचे उत्तरेचे कडेन वचून सद्याचे संदर्भ खांबो क्र. 1267/4-R-B आनी 1267/3-R-I हांचे उत्तरेक विद्यमान आंतरराष्ट्रीय शिमेक मेळसर.

(iv) *दावकी*/तमाबिल वाठार

ही शीम, विद्यमान शिमे खांबो क्र. 1275/1-S ते शिमे खांबो क्र. 1275/7-S हांकां जोडपी सरळ वळींत काडटले. पक्षकार ह्या वाठारांत 'शून्य वळी'चेर वंय घालूंक सहमत आसात.

(v) *नलजुरी/श्रीपुर वाठार*

(कक) *नलजुरी I*

ही शीम, शिरे-नकसो क्र. 166 हातूंत दाखयिल्ल्या प्रमाणें विद्यमान शिमे खांबो क्र. 1277/2-S सावन दक्षीणेचे दिकेन तीन कुडक्यां मेरेन एके वळींत वचून शिमे खांबो क्र. 1277/5-T कडल्यान व्हांवतल्या व्हाळाक मेळसर, ताचे उपरांत ती त्या व्हाळाचे पश्चीम कडेक धरून दक्षीणे दिकेन बांगलादेशाचे वटेन 2 कुडक्यां मेरेन वतली, ताचे उपरांत ती शिमे खांबो क्र. 1277/4-S सावन काडिल्ले वळीक मेळसर उदेंतीचे दिकेन वतली.

(कख) *नलजुरी III*

ही शीम, विद्यमान शिमे खांबो क्र 1278/2-S सावन शिमे खांबो क्र. 1279/3-S मेरेन एके सरळ वळींत काडटले.

*(vi) मुक्तापूर/ डिबिर हावोर वाठार*

भारतीय नागरिकांक काली मंदिरांत वचूंक दितले आनी मुक्तापूर/ *डिबिर हावोर* वाठारांतल्या न्हंये पात्राच्या मुक्तापुरा वटेनच्या कांठा वयल्यान उदक घेवंक दितले आनी नुस्तेंमारीचे हक्क भोगूंक दितले अशें पक्षकार मान्य करतात.

**(ग) त्रिपुरा विभाग**

चंदननगर-चंपाराई हांगाच्या मळ्यांचो वाठार त्रिपुरा/ मौलवी बझार विभागांत

ही शीम, जुलय, 2011त संयुक्तपणान सर्वेक्षण केल्ले प्रमाणें आनी मान्य केल्ल्या प्रमाणें सोनाराई चेरा न्हंयेक धरून, विद्यमान शिमे खांबो क्र.1904 ते शिमे खांबो क्र. 1905 मेरेन काडटले.

**(घ) आसाम विभाग**

(i) *आसाम विभागांतलो कालाबारी (बोरोइबारी) वाठार*

ऑगस्ट, 2011 त संयुक्तपणान सर्वेक्षण केल्ल्या प्रमाणें आनी कबूल केल्ल्या प्रमाणें विद्यमान शिमे खांबो क्र. 1066/24-T ते शिमे खांबो क्र. 1067/16-T मेरेन शिमो काडटले.

(ii) *आसाम विभागांतलो पल्लाथल वाठार*

च्याच्या मळ्याचे भायले कडेच्यान वचपा खातीर विद्यमान शिमे खांबो क्र. 1370/3-S ते 1371/6-S आनी शिमे खांबो क्र. 1372 ते 1373/2-S पसून पान कुळागराचे भायले कडे मेरेन शिमो काडटले.

## III. तारीख 16 मे, 1974 चे कबलातीचो अनुच्छेद 1(12) आनी तारीख 6 सप्टेंबर, 2011 चे कबलातीच्या शिश्टाचाराक धरून भारत आनी बांगलादेश हांच्या मदली परिक्षेत्रांची विनिमय सुची.

### क. क्षेत्रफळा सयत बांगला देशांतलीं विनिमय-योग्य भारतीय परिक्षेत्रां

| अ.क्र. | छिटाच्या क्रमांकाचें नांव | छीट क्र. | बांगलादेश पुलीस ठाण्याचे हद्दींत येवपी | पश्चीम बंगाल पुलीस ठाण्याचे हद्दींत येवपी | क्षेत्रफळ एकरांनी |
|---|---|---|---|---|---|
| 1 | 2 | 3 | 4 | 5 | 6 |
| | | | क. *स्वतंत्र छिटां आशिल्लीं परिक्षेत्रां* | | |
| 1. | गराती | 75 | पोचागर | हल्दीबाडी | 58.23 |
| 2. | गराती | 76 | पोचागर | हल्दीबाडी | 0.79 |
| 3. | गराती | 77 | पोचागर | हल्दीबाडी | 18 |
| 4. | गराती | 78 | पोचागर | हल्दीबाडी | 958.66 |
| 5. | गराती | 79 | पोचागर | हल्दीबाडी | 1.74 |
| 6. | गराती | 80 | पोचागर | हल्दीबाडी | 73.75 |
| 7. | बिंगीमरी भाग-I | 73 | पोचागर | हल्दीबाडी | 6.07 |

(परिशिश्ट I)

| 1 | 2 | 3 | 4 | 5 | 6 |
|---|---|---|---|---|---|
| 8. | नजीरगंज | 41 | बोडा | हल्दीबाडी | 58.32 |
| 9. | नजीरगंज | 42 | बोडा | हल्दीबाडी | 434.29 |
| 10. | नजीरगंज | 44 | बोडा | हल्दीबाडी | 53.47 |
| 11. | नजीरगंज | 45 | बोडा | हल्दीबाडी | 1.07 |
| 12. | नजीरगंज | 46 | बोडा | हल्दीबाडी | 17.95 |
| 13. | नजीरगंज | 47 | बोडा | हल्दीबाडी | 3.89 |
| 14. | नजीरगंज | 48 | बोडा | हल्दीबाडी | 73.27 |
| 15. | नजीरगंज | 49 | बोडा | हल्दीबाडी | 49.05 |
| 16. | नजीरगंज | 50 | बोडा | हल्दीबाडी | 5.05 |
| 17. | नजीरगंज | 51 | बोडा | हल्दीबाडी | 0,77 |
| 18. | नजीरगंज | 52 | बोडा | हल्दीबाडी | 1.04 |
| 19. | नजीरगंज | 53 | बोडा | हल्दीबाडी | 1.02 |
| 20. | नजीरगंज | 54 | बोडा | हल्दीबाडी | 3.87 |
| 21. | नजीरगंज | 55 | बोडा | हल्दीबाडी | 12.18 |
| 22. | नजीरगंज | 56 | बोडा | हल्दीबाडी | 54.04 |
| 23. | नजीरगंज | 57 | बोडा | हल्दीबाडी | 8.27 |
| 24. | नजीरगंज | 58 | बोडा | हल्दीबाडी | 14.22 |
| 25. | नजीरगंज | 60 | बोडा | हल्दीबाडी | 0.52 |
| 26. | पुटीमारी | 59 | बोडा | हल्दीबाडी | 122.8 |
| 27. | दैखाता छट | 38 | बोडा | हल्दीबाडी | 499.21 |
| 28. | सल्बरी | 37 | बोडा | हल्दीबाडी | 1188.93 |
| 29. | काजल दिघी | 36 | बोडा | हल्दीबाडी | 771.44 |
| 30. | नटकटोका | 32 | बोडा | हल्दीबाडी | 162.26 |
| 31. | नटकटोका | 33 | बोडा | हल्दीबाडी | 0.26 |
| 32. | बेउलाडांगा छट | 35 | बोडा | हल्दीबाडी | 0.83 |
| 33, | बलापारा इगराबार | 3 | देबीगंज | हल्दीबाडी | 1752.44 |
| 34. | बरा खनकि खरीजा सितलदहा | 30 | दिमला | हल्दीबाडी | 7.71 |

| 1 | 2 | 3 | 4 | 5 | 6 |
|---|---|---|---|---|---|
| 35. | बरा खनकि खरीजा सितलदहा | 29 | दिमला | हल्दीबाडी | 36.83 |
| 36. | बराखनगीर | 28 | दिमला | हल्दीबाडी | 30.53 |
| 37. | नगरजिकोबारी | 31 | दिमला | हल्दीबाडी | 33.41 |
| 38. | कुचलीबारी | 26 | पतग्राम | मेकलीगंज | 5.78 |
| 39. | कुचलीबारी | 27 | पतग्राम | मेकलीगंज | 2.04 |
| 40. | बडा कुचलीबारी | मेकलीगंज पुलीस ठाण्याच्या जे. ऍल्. 107 चो विखंड | पतग्राम | मेकलीगंज | 4.35 |
| 41. | जमालदहा बलापुखरी | 6 | पतग्राम | मेकलीगंज | 5.24 |
| 42. | उपोनचौकी कुचलीबारी | 115/2 | पतग्राम | मेकलीगंज | 0.32 |
| 43. | उपोनचौकी कुचलीबारी | 7 | पतग्राम | मेकलीगंज | 44.04 |
| 44. | भोथनरी | 11 | पतग्राम | मेकलीगंज | 36.83 |
| 45. | बलापुखरी | 5 | पतग्राम | मेकलीगंज | 55.91 |
| 46. | बराखनगीर | 4 | पतग्राम | मेकलीगंज | 50.51 |
| 47. | बराखनगीर | 9 | पतग्राम | मेकलीगंज | 87.42 |
| 48. | छट बोगडोकरा | 10 | पतग्राम | मेकलीगंज | 41.7 |
| 49. | रतनपूर | 11 | पतग्राम | मेकलीगंज | 58.91 |
| 50. | बोगडोकरा | 12 | पतग्राम | मेकलीगंज | 25.49 |
| 51. | पुलकर डाबरी | मेकलीगंज पुलीस ठाण्याच्या जे एल107 चो विखंड | पतग्राम | मेकलीगंज | 0.88 |

(परिशिश्ट I)

| 1 | 2 | 3 | 4 | 5 | 6 |
|---|---|---|---|---|---|
| 52. | खारखरीया | 15 | पतग्राम | मेकलीगंज | 60.74 |
| 53. | खारखरीया | 13 | पतग्राम | मेकलीगंज | 51.62 |
| 54. | लोटामारी | 14 | पतग्राम | मेकलीगंज | 110.92 |
| 55. | बोतबारी | 16 | पतग्राम | मेकलीगंज | 205.46 |
| 56. | कोमट चांगराबंधा | 16ए | पतग्राम | मेकलीगंज | 42.8 |
| 57. | कोमट चांगराबंधा | 17ए | पतग्राम | मेकलीगंज | 16.01 |
| 58 | पनीसाला | 17 | पतग्राम | मेकलीगंज | 137.66 |
| 59. | द्वारीकामारी खाशबाश | 18 | पतग्राम | मेकलीगंज | 36.5 |
| 60. | पनीसाला | 153/पी | पतग्राम | मेकलीगंज | 0.27 |
| 61. | पनीसाला | 153/ओ | पतग्राम | मेकलीगंज | 18.01 |
| 62. | पनीसाला | 19 | पतग्राम | मेकलीगंज | 64.63 |
| 63, | पनीसाला | 21 | पतग्राम | मेकलीगंज | 51.4 |
| 64. | लोटामारी | 20 | पतग्राम | मेकलीगंज | 283.53 |
| 65. | लोटामारी | 22 | पतग्राम | मेकलीगंज | 98.85 |
| 66. | द्वारीकामारी | 23 | पतग्राम | मेकलीगंज | 39.52 |
| 67. | द्वारीकामारी | 25 | पतग्राम | मेकलीगंज | 45.73 |
| 68. | छट भोथाट | 24 | पतग्राम | मेकलीगंज | 56.11 |
| 69. | बाकाटा | 131 | पतग्राम | हथाभांगा | 22.35 |
| 70. | बाकाटा | 132 | पतग्राम | हथाभांगा | 11.96 |
| 71. | बाकाटा | 130 | पतग्राम | हाथीभांगा | 20.48 |
| 72. | भोग्रामगुरी | 133 | पतग्राम | हाथीभांगा | 1.44 |
| 73. | चेनाकाटा | 134 | पतग्राम | मेकलीगंज | 7.81 |
| 74. | बांसकाटा | 119 | पतग्राम | माथाभांगा | 413.81 |
| 75. | बांसकाटा | 120 | पतग्राम | माथाभांगा | 30.75 |
| 76. | बांसकाटा | 121 | पतग्राम | माथाभांगा | 12.15 |
| 77. | बांसकाटा | 113 | पतग्राम | माथाभांगा | 57.86 |
| 78. | बांसकाटा | 112 | पतग्राम | माथाभांगा | 315.04 |
| 79. | बांसकाटा | 114 | पतग्राम | माथाभांगा | 0.77 |

| 1 | 2 | 3 | 4 | 5 | 6 |
|---|---|---|---|---|---|
| 80. | बांसकाटा | 115 | पतग्राम | माथाभांगा | 29.2 |
| 81. | बांसकाटा | 122 | पतग्राम | माथाभांगा | 33.22 |
| 82. | बांसकाटा | 127 | पतग्राम | माथाभांगा | 12.72 |
| 83. | बांसकाटा | 128 | पतग्राम | माथाभांगा | 2.33 |
| 84. | बांसकाटा | 117 | पतग्राम | माथाभांगा | 2.55 |
| 85. | बांसकाटा | 118 | पतग्राम | माथाभांगा | 30.98 |
| 86. | बांसकाटा | 125 | पतग्राम | माथाभांगा | 0.64 |
| 87. | बांसकाटा | 126 | पतग्राम | माथाभांगा | 1.39 |
| 88. | बांसकाटा | 129 | पतग्राम | माथाभांगा | 1.37 |
| 89. | बांसकाटा | 116 | पतग्राम | माथाभांगा | 16.96 |
| 90. | बांसकाटा | 123 | पतग्राम | माथाभांगा | 24.37 |
| 91. | बांसकाटा | 124 | पतग्राम | माथाभांगा | 0.28 |
| 92. | गोटामारी छीट | 135 | हातीबांधा | सितलकुची | 126.59 |
| 93. | गोटामारी छीट | 136 | हातीबांधा | सितलकुची | 20.02 |
| 94. | बनापचाई | 151 | लालमोनीरहाट | दिनहाटा | 217.29 |
| 95. | बनापचाई भितरकुथी | 152 | लालमोनीरहाट | दिनहाटा | 81.71 |
| 96. | दसिआर छारा | 150 | फुलबारी | दिनहाटा | 1643.44 |
| 97. | दकिरहाट-डाकिनिरकुथी | 156 | कुरीग्राम | दिनहाटा | 14.27 |
| 98. | कलामती | 141 | भुरुंगामारी | दिनहाटा | 21.21 |
| 99 | भाहोबगंज | 153 | भुरुंगामारी | दिनहाटा | 31.58 |
| 100. | बाहोतीकुर्सा | 142 | भुरुंगामारी | दिनहाटा | 45.63 |
| 101. | बारा कौचुलका | 143 | भुरुंगामारी | दिनहाटा | 39.99 |
| 102. | गौचुलका II | 147 | भुरुंगामारी | दिनहाटा | 0.9 |
| 103. | गौचुलका I | 146 | भुरुंगामारी | दिनहाटा | 8.92 |
| 104. | दिघालतरी II | 145 | भुरुंगामारी | दिनहाटा | 8.81 |
| 105. | दिघालतरी I | 144 | भुरुंगामारी | दिनहाटा | 12.31 |
| 106. | छोटू गरलझोरा II | 149 | भुरुंगामारी | दिनहाटा | 17.85 |

(परिशिश्ट I)

| 1 | 2 | 3 | 4 | 5 | 6 |
|---|---|---|---|---|---|
| 107. | छोटू गरलझोरा I | 148 | भुरुंगमारी | दिनहाटा | 35.74 |
| 108. | 1 छीट* दक्षीणे कडलो आनी जेएल क्रमांक 38 चो तशेंच जेएल क्रमांक 39 (थळावे अशोकबारी** म्हूण वळखतात तो) च्या दक्षीणे कडल्या तोंकाक नांव आनी जे एल क्रमांक नाशिल्लो. | | पतग्राम | माथाभांगा | 3.5 |

*विखंडीत छिटां आशिल्लीं परिक्षेत्रां*

| | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| 109. | (i) बेवलाडांगा | 34 | हल्दीबाडी | बोडा | 862.46 |
| | (ii) बेवलाडांगा | विखंड | हल्दीबाडी | देबीगंज | |
| 110. | (i) कोटभजनी | 2 | हल्दीबाडी | देबीगंज | 2012.27 |
| | (ii) कोटभजनी | विखंड | हल्दीबाडी | देबीगंज | |
| | (iii) कोटभजनी | विखंड | हल्दीबाडी | देबीगंज | |
| | (iv) कोटभजनी | विखंड | हल्दीबाडी | देबीगंज | |
| 111. | (i) दहाला | खग्राब्री | हल्दीबाडी | देबीगंज | 2650.35 |
| | (ii) दहाला | विखंड | हल्दीबाडी | देबीगंज | |
| | (iii) दहाला | विखंड | हल्दीबाडी | देबीगंज | |
| | (iv) दहाला | विखंड | हल्दीबाडी | देबीगंज | |

* 29 सप्टेंबर ते 2 ऑक्टोबर 2002 ह्या काळांत कोलकात्यांत जाल्ले 150वे (54वे) भारत-बांगलादेश शीम परिशदे वरवीं सारकें केलें.

** 18 ते 20 सप्टेंबर 2003 ह्या काळांत कुचबिहार जाल्ले 152वे (56वे) भारत-बांगलादेश शीम परिशदे वरवीं सारकें केलें.

| 1 | 2 | 3 | 4 | 5 | 6 |
|---|---|---|---|---|---|
| | (v) दहाला | विखंड | हल्दीबाडी | देबीगंज | |
| | (vi) दहाला | विखंड | हल्दीबाडी | देबीगंज | |
| | | | | | 17160.63 |

वयर दिल्ल्या परिक्षेत्रांच्या तपशिलांची संयुक्तपणान तुळा आनी ताळमेळ भारत आनी बांगलादेशान 9-12 ऑक्टोबर, 1996 ह्या काळांत कोलकातांत जाल्ले भारत- बांगलादेश परिशदे वेळार तशेंच 21-24 नोव्हेंबर, 1996 ह्या काळांत जलपैगुडी (पश्चीम बंगाल) पंचगढ (बांगलादेश) वाठारांत संयुक्त क्षेत्र तपासणे वेळार दवरिल्ले नोंदी कडेन केला.

*टीप:* 1996-97 च्या पिके हंगामांत पयले संयुक्त पडटाळणे वरवीं वयल्या अनु.108 तलें परिक्षेत्र अशोकाबाडी ह्या नांवान वळखतात.

ब्रिगे. जे आर पिटर
संचालक भू-अभिलेख आनी सर्वेक्षण
(*पदसिद्ध*) पश्चीम बंगाल, भारत आनी
संचालक, भारतीय उदेंत विभाग सर्वेक्षण,
कोलकाता.

मो. शफी उद्दीन
म्हासंचालक, भू-अभिलेख
आनी सर्वेक्षण, बांगलादेश.

**ख. क्षेत्रफळा सयत भारतांतलीं विनिमय-योग्य बांगलादेशी परिक्षेत्रां**

| अ. | छिटाचें नांव | पश्चीम बंगाल पुलीस ठाण्याचे हद्दींत येवपी | बांगलादेश पुलीस ठाण्याचे हद्दींत येवपी | जे.एल. क्रमांक | क्षेत्रफळ एकरांनी |
|---|---|---|---|---|---|
| **1** | **2** | **3** | **4** | **5** | **6** |
| | | ***क. स्वतंत्र छिटांचीं परिक्षेत्रां*** | | | |
| 1. | छीट कुचलीबाडी | मेकलीगंज | पतग्राम | 22 | 370.64 |
| 2. | कुचलीबाडीची छीट जमीन | मेकलीगंज | पतग्राम | 24 | 1.83 |
| 3. | बालापुखारी | मेकलीगंज | पतग्राम | 21 | 331.64 |
| 4. | पानबाडीची छीट जमीन क्र. 2 | मेकलीगंज | पतग्राम | 20 | 1.13 |

(परिशिश्ट I)

| 1 | 2 | 3 | 4 | 5 | 6 |
|---|---|---|---|---|---|
| 5. | छीट पानबाडी | मेकलीगंज | पतग्राम | 18 | 108.59 |
| 6. | धाबालसती मिरगीपूर | मेकलीगंज | पतग्राम | 15 | 173.88 |
| 7. | बामंडळ | मेकलीगंज | पतग्राम | 11 | 2.24 |
| 8. | छीट धाबालसती | मेकलीगंज | पतग्राम | 14 | 66.58 |
| 9. | धाबालसती | मेकलीगंज | पतग्राम | 13 | 60.नी5 |
| 10. | श्रीरामपूर | मेकलीगंज | पतग्राम | 8 | 1.05 |
| 11. | जोते निज्जामा | मेकलीगंज | पतग्राम | 3 | 87.54 |
| 12. | जगतबेर क्र. 3 ची छीट जमीन | माथाभांगा | पतग्राम | 37 | 69.84 |
| 13. | जगतबेर क्र. 1 ची छीट जमीन | माथाभांगा | पतग्राम | 35 | 30.66 |
| 14. | जगतबेर क्र. 2 ची छीट जमीन | माथाभांगा | पतग्राम | 36 | 27.09 |
| 15. | छीट कोकौबारी | माथाभांगा | पतग्राम | 47 | 29.49 |
| 16. | छीट भंडारदहा | माथाभांगा | पतग्राम | 67 | 39.96 |
| 17. | धाबालगुडी | माथाभांगा | पतग्राम | 52 | 12.5 |
| 18. | छीट धाबालगुडी | माथाभांगा | पतग्राम | 53 | 22.31 |
| 19. | धाबालगुडी क्र.3 ची छीट जमीन | माथाभांगा | पतग्राम | 70 | 1.33 |
| 20. | धाबालगुडी क्र.4 ची छीट जमीन | माथाभांगा | पतग्राम | 71 | 4.55 |
| 21. | धाबालगुडी क्र.5 ची छीट जमीन | माथाभांगा | पतग्राम | 72 | 4.12 |
| 22. | धाबालगुडी क्र.1 ची छीट जमीन | माथाभांगा | पतग्राम | 68 | 26.83 |
| 23. | धाबालगुडी क्र.2 ची छीट जमीन | माथाभांगा | पतग्राम | 69 | 13.95 |
| 24. | माहिशमारी | सितालकुची | पतग्राम | 54 | 122.77 |
| 25. | बुरा सराडुबी | सितालकुची | हातीबांधा | 13 | 34.96 |

| 1 | 2 | 3 | 4 | 5 | 6 |
|---|---|---|---|---|---|
| 26. | फालनापूर | सितालकुची | पतग्राम | 64 | 505.56 |
| 27. | अमझोल | सितालकुची | हातीबांधा | 57 | 1.25 |
| 28. | किस्मत बत्रीगच्च | दिनहाटा | कालीगंज | 82 | 209.95 |
| 29. | दुर्गापूर | दिनहाटा | कालीगंज | 83 | 20.96 |
| 30. | बनसुआ खामर गितालदाहा | दिनहाटा | लालमोनीरहाट | 1 | 24.54 |
| 31. | पोआतूरकुथी | दिनहाटा | लालमोनीरहाट | 37 | 589.94 |
| 32. | पश्चीम बाकालीर छारा | दिनहाटा | भुरुंगमरी | 38 | 151.98 |
| 33. | मध्य बाकालीर छारा | दिनहाटा | भुरुंगमरी | 39 | 32.72 |
| 34. | पूर्व बाकालीर छारा | दिनहाटा | भुरुंगमरी | 40 | 12.23 |
| 35. | मध्य मसलडांगा | दिनहाटा | भुरुंगमरी | 3 | 136.66 |
| 36. | मध्य छीट मसलडांगा | दिनहाटा | भुरुंगमरी | 8 | 11.87 |
| 37. | पश्चीम छीट मसलडांगा | दिनहाटा | भुरुंगमरी | 7 | 7.6 |
| 38. | उत्तर मसलडांगा | दिनहाटा | भुरुंगमरी | 2 | 27.29 |
| 39. | कछुआ | दिनहाटा | भुरुंगमरी | 5 | 119.74 |
| 40. | उत्तर बांसजनी | तुफानगंज | भुरुंगमरी | 1 | 47.17 |
| 41. | छट तिलय | तुफानगंज | भुरुंगमरी | 17 | 81.56 |
| | **ख.** ***विखंडीत छिटांचीं परिक्षेत्रां*** | | | | |
| 42. | (i) नलग्राम | सितालकुची | पतग्राम | 65 | 1397.34 |
| | (ii) नलग्राम (विखंड) | सितालकुची | पतग्राम | 65 | |
| | (ii) नलग्राम (विखंड) | सितालकुची | पतग्राम | 65 | |

(परिशिश्ट I)

| 1 | 2 | 3 | 4 | 5 | 6 |
|---|---|---|---|---|---|
| 43. | (i) छीट नलग्राम | सितालकुची | पतग्राम | 66 | 49.5 |
| | (ii) छीट नलग्राम (विखंड) | सितालकुची | पतग्राम | 66 | |
| 44. | (i) बट्रीगच्छ | दिनहाटा | कालीगंज | 81 | 577.37 |
| | (ii) बट्रीगच्छ (विखंड) | दिनहाटा | कालीगंज | 81 | |
| | (iii) बट्रीगच्छ (विखंड) | दिनहाटा | फुलबाडी | 9 | |
| 45. | (i) कराला | दिनहाटा | फुलबाडी | 9 | 269.91 |
| | (ii) कराला (विखंड) | दिनहाटा | फुलबाडी | 9 | |
| | (iii) कराला (विखंड) | दिनहाटा | फुलबाडी | 8 | |
| 46. | (i) सिप्रसाद मुस्ताती | दिनहाटा | फुलबाडी | 8 | 373.2 |
| | (ii) सिप्रसाद मुस्ताती (विखंड) | दिनहाटा | फुलबाडी | 6 | |
| 47. | (i) दक्षीण मसलडांगा | दिनहाटा | भुरुंगमरी | 6 | 571.38 |
| | (ii) दक्षीण मसलडांगा (विखंड) | दिनहाटा | भुरुंगमरी | 6 | |
| | (iii) दक्षीण मसलडांगा (विखंड) | दिनहाटा | भुरुंगमरी | 6 | |
| | (iv) दक्षीण मसलडांगा (विखंड) | दिनहाटा | भुरुंगमरी | 6 | |
| | (v) दक्षीण मसलडांगा (विखंड) | दिनहाटा | भुरुंगमरी | 6 | |
| | (vi) दक्षीण मसलडांगा (विखंड) | दिनहाटा | भुरुंगमरी | 6 | |

(परिशिश्ट I)

| 1 | 2 | 3 | 4 | 5 | 6 |
|---|---|---|---|---|---|
| 48. | (i) पश्चीम मसलडांगा | दिनहाटा | भुरुंगमरी | 4 | 29.49 |
| | (ii) पश्चीम मसलडांगा (विखंड) | दिनहाटा | भुरुंगमरी | 4 | |
| 49 | (i) पूर्व छीट मसलडांगा | दिनहाटा | भुरुंगमरी | 10 | 35.01 |
| | (ii) पूर्व छीट मसलडांगा (विखंड) | दिनहाटा | भुरुंगमरी | 10 | |
| 50. | (i) पूर्व मसलडांगा | दिनहाटा | भुरुंगमरी | 11 | 153.89 |
| | (ii) पूर्व मसलडांगा (विखंड) | दिनहाटा | भुरुंगमरी | 11 | |
| 51. | (i) उत्तर धालडांगा | तुफानगंज | भुरुंगमरी | 14 | 24.98 |
| | (ii) उत्तर धालडांगा (विखंड) | तुफानगंज | भुरुंगमरी | 14 | |
| | (iii) उत्तर धालडांगा (विखंड) | तुफानगंज | भुरुंगमरी | 14 | |
| | वट्ट क्षेत्रफळ | | | | 7,110.02 |

वयर दिल्ल्या परिक्षेत्रांच्या तपशिलांची संयुक्तपणान तुळा आनी ताळमेळ भारत आनी बांगलादेशान 9-12 ऑक्टोबर, 1996 ह्या काळांत कलकत्तांत जाल्ले भारत- बांगलादेश परिशदे वेळार तशेंच 21-24 नोव्हेंबर, 1996 ह्या काळांत जलपैगुडी (पश्चीम बंगाल) पंचगढ (बांगलादेश) वाठारांत संयुक्त क्षेत्र तपासणी वेळार दवरिल्ले नोदीं कडेन केला.

ब्रिगे. जे आर पिटर
संचालक भू-अभिलेख आनी सर्वेक्षण
(*पदसिद्ध*) पश्चीम बंगाल, भारत आनी
संचालक, भारतीय उदेंत विभाग सर्वेक्षण,
कोलकाता.

मो. शफी उद्दीन
महासंचालक भू-अभिलेख
आनी सर्वेक्षण, बांगलादेश

# परिशिश्ट II

# [1]संविधान (जम्मू आनी काश्मीराक लागू) आदेश, 2019

# सं.आ. 272

संविधानाच्या 370व्या अनुच्छेदाच्या पोटकलम (1) वरवीं प्रदान केल्ल्या अधिकारांचो वापर करून, राष्ट्रपती, जम्मू आनी काश्मीर राज्याच्या सरकाराचे सहमतीन फुडलो आदेश करता;—

1.(1) ह्या आदेशाक संविधान (जम्मू आनी काश्मीराक लागू) आदेश, 2019 अशें म्हणटले.

(2) हो तत्काळ अंमलांत येतलो आनी त्या उपरांत, वेळावेळार बदल केल्लो संविधान (जम्मू आनी काश्मीराक लागू) आदेश, 1954 हाका निश्प्रभावी करतलो.

2. वेळावेळार बदल केल्ल्या प्रमाणें, संविधानाचे सगले उपबंध, जम्मू-काश्मीर राज्याच्या संदर्भांत लागू जातले आनी ते ज्या आडवाद आनी फेरबदलांचे अधीनतायेन तशे लागू जातले ते अशे आसतले: -

अनुच्छेद 367 हातूंत सकयल दिलां तें आनीक एक पोटकलम जोडटले, तें अशें:-

"(4) ह्या संविधानाच्या, जशे तरेन तें जम्मू आनी काश्मीर राज्याच्या संबंदांत लागू जाता, प्रयोजनां खातीर-

(क) ह्या संविधानाक वा ताच्या उपबंधांक लेखून निर्देश आसात तांचो अर्थ, ते निर्देश वयल्या राज्याच्या संबंदांत लागू संविधानाक वा ताच्या उपबंधांक लेखुनूय आसात, असो लायतले;

(ख) राज्याचे विधानसभेचे शिफारशीन राष्ट्रपती वरवीं, जम्मू काश्मीराच्या सदर-ए-रियासत हाच्या रुपान तशे तरेचे मान्यताय प्राप्त तशेंच तत्सम पदाचेर आशिल्ले, राज्य मंत्रीमंडळाच्या सल्ल्यान काम करपी व्यक्तीक लेखून उल्लेख आसात तांचो अर्थ, जम्मू आनी काश्मीर राज्याच्या राज्यपालाक लेखून उल्लेख आसात, असो लायतले.

(ग) वयल्या राज्याच्या सरकाराक लेखून जे निर्देश आसात ताचो अर्थ, तांचे खाला आसपाविल्ल्या आपणाल्या मंत्रीमंडळाच्या सल्ल्यान काम करपी जम्मू-काश्मीर राज्याच्या राज्यपालाक लेखून ते निर्देश आसात, असो लायतले; आनी.

(घ) ह्या संविधानाच्या अनुच्छेद 370चें पोटकलम (3) हातूंतल्या परंतुका प्रमाणें, "पोटकलम (2) हातूंत उल्लेख केल्ली राज्याची संविधान सभा" हो शब्दप्रयोग "राज्य विधान सभा" असो वाचतले.

---

[1] विधी आनी न्याय मंत्रालय, (विधीमंडळ खातें) अधिसुचोवणी क्रमांक G.S.R. 551(E), तारीख 5 ऑगस्ट 2019, भारत राजपत्र, असादारण, भाग II, विभाग 3, उप-विभाग (i) हांचे वांगडा प्रकाशीत केल्या.

# परिशिश्ट III

## [1]संविधानाच्या अनुच्छेद 370(3) खाला घोशणा

# सं.आ. 273

भारतीय संविधानाच्या 370 व्या अनुच्छेदाच्या पोटकलम (1) प्रमाणें 370व्या अनुच्छेदाचें पोटकलम (1) वरवीं प्रदान केल्ल्या अधिकाराचो वापर करून, राष्ट्रपती, संसदेचे शिफारशी प्रमाणें, जाहीर करता की, 6 ऑगश्ट 2019 दिसा सावन 370 व्या अनुच्छेदांतलीं सगलीं पोटकलमां वापरा खातीर कार्यशील उरपाचीं बंद जातलीं, फकत एक आडवाद सोडून जो सकयल दिल्ले प्रमाणें आसतलो/असो वाच्चो:—

> "370. अनुच्छेद 152 वा अनुच्छेद 308 हातूंत वा ह्या संविधानांतलो हेर खंयचोय अनुच्छेद वा जम्मू आनी काश्मीरच्या संविधानांतलो हेर खंयचोय उपबंध वा भारताच्या राज्यक्षेत्रांत कायद्याचें बळ आशिल्लो खंयचोय कायदो, कसलेंय लिखीत, कसलोय न्यायनिर्णय, अध्यादेश, आदेश, पोटनेम, नेम, विनेम, अधिसुचोवणी, रुढी वा प्रथा वा अनुच्छेद 363 खाला परिकल्पी कसलोय दस्तावेज, कबलात वा सहमतीपत्र हातूंत कितेंय विरोधी आसपावीत आसलें तरीय, जम्मू आनी काश्मीर राज्याक फेरबदल आनी आडवादा विणें वेळावेळार बदलिल्ले संविधानांतले सगले उपबंध लागू जातले."

[1] विधी आनी न्याय मंत्रालय, (विधीमंडळ खातें) अधिसुचोवणी क्रमांक G.S.R. 562(E), तारीख 6 ऑगस्ट 2019, भारत राजपत्र, असादारण, भाग II, विभाग 3, उप-विभाग (i) हांचे वांगडा प्रकाशीत केल्या.



N T M

Language consultancy and translation facilitated by

National Translation Mission

Central Institute of Indian Languages, Mysore